# तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन

**डॉक्टर ऑफ फिलोसोफी**

हे पदवे खातीर

गोंय विद्यापीठाचे शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशालेचे कोंकणी अध्ययनशाखेंत

आंशीक पुर्ततायेन सादर केल्लो प्रबंध

सोदवावर करपी


**लुईस झेवियर गोमिश**

गोंय विद्यापीठ

ताळगांव सडो, गोंय.


सप्टेंबर 2021

# REFLECTION OF SOCIAL LIFE IN THE SELECTED TEATROS OF TOMAZINHO CARDOZO

A THESIS SUBMITTED IN PARTIAL FULFILLMENT FOR THE DEGREE OF

DOCTOR OF PHILOSOPHY

IN THE SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES AND LITERATURE

GOA UNIVERSITY

By

**Luis Xavier Gomes**

Goa University

Goa

September 2021

# जाहिरनामो

हो प्रबंध म्हज्या अभ्यासाचें आनी वावराचें फळ आसा अशें हांव, लुईस झेवियर गोमिश जाहीर करतां. हो सोदवावर हे आदीं हांवें ह्या वा दुसऱ्या खंयच्याच विद्यापीठाची पदवी, पदविका वा दाखलो हांचे परिक्षे खातीर सादर करूंक ना म्हणपाचेंय हांव हांगा जाहीर करतां.

थळ: ताळगांव सडो, गोंय. लुईस झेवियर गोमिश

तारीख: 07 सप्टेंबर 2021 विद्यार्थी

# प्रमाणपत्र

हो प्रबंध म्हज्या मार्गदर्शना खाला पूर्ण केला. प्रबंध लिखाणांत ज्या साहित्याचो आदार घेतला ताचो फावो थंय उल्लेख केला. हो प्रबंध ताचो स्वताचो सोदवावर आसा.

उदय भेंब्रे

मार्गदर्शक

# उपकाराचीं उतरां

‘उपकार’ हें उतर ओंठांतल्यान भायर सरप खूब सोंपें, पूण त्या उतरांतली भावना कितले खोलायेंतल्यान आयिल्ली आसा तें फकत जाचेर उपकार केला ताकाच कळटा. म्हजेर केल्ले उपकार सदांच यादीक उरतले. खरें म्हणल्यार तांचे उपकार कशे मानप तेंच कळना. तांणी जी मदत म्हाका केल्या ती उतरांनी सांगली तरी उणी म्हणपाची.

***तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन*** हो प्रबंध पुराय जाला म्हूण म्हाका खोस भोगता. म्हज्या ह्या प्रबंधाक जायत्या जाणांचें प्रत्यक्ष-अप्रत्यक्ष मार्गदर्शन आनी आदार लाबला. त्या समेस्तांचे काळजा मना सावन उपकार आठोवप हें म्हजें कर्तव्य समजतां.

देवाची कृपा आसप म्हणल्यार सगळें बरें जावप. हो प्रबंध पुराय करतना देवाची कृपा हांवें पावला कणकणीं अणभवली हे खातीर देवाचे उपकार आठयतां. तशेंच भोवमानादीक फिलीप नेरी कार्डिनाल फेर्रांव हांचो आशिर्वाद म्हाका फावला.

गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागांतले आदले बा. भ. बोरकार अध्यासन प्रोफेसर आनी म्हजे मार्गदर्शक उदय भेंब्रे हांणी म्हाका वेळच्या वेळार उर्बा दिली, बरप वेळार तपासून फावो थंय सुचोवण्यो दिवन योग्य मार्गदर्शन दिल्ले खातीर तांकां दिनवासतां. तशेंच गोंय विद्यापीठाचे उपकुलगुरुचे प्रतिनिधी आनी आदले कोंकणी विभाग मुखेली, डॉ. प्रकाश पर्येंकार आनी श्री. नागेश करमली हांणीय मार्गदर्शन दिल्ले खातीर हांव तांचे आभार मानतां.

गोंय सरकाराच्या उच्च शिक्षण खात्याचे संचालक, गोंय विद्यापीठाचे कुलसचीव, सेंट झेवियर्स महाविद्यालयाचे प्राचार्य, प्रशासक आनी कोंकणी विभागाचे मुखेली हांचो म्हाका आदार फावो जाल्ले खातीर तांकां देव बरें करूं म्हणटां.

गोंय विद्यापीठाचे कोंकणी विभाग मुखेली डॉ. हुनुमंत चोपडेकार तशेंच ह्या विभागांत वावुरपी हांचोय म्हाका खूब सहकार लाबला. आदली विभाग मुखेली, प्रा. प्रियदर्शिनी तडकोडकार हिणें म्हाका प्रोत्साहीत केला.

प्रस्तूत सोदवावर आकाराक येतना श्री. तोमाझिन्यु कार्दोज हांकां खूबदां भेटप जालें. तांणी उदार मनान माहिती दिल्ले खातीर तांच्या उपकारांत आसां.

तियात्र अकादमीचें ग्रंथालय, गोंय विद्यापीठाचें ग्रंथालय, सेन्ट्रल लायब्ररी पणजी, सेंट झेवियर्स महाविद्यालयाचें ग्रंथालय, गोवा कोंकणी अकादेमीचें ग्रंथालय, दाल्गादो अकादमीचें ग्रंथालय, ब्राझिन्यु सुआरीस हांचें खासगी ग्रंथालय ह्या साबार ग्रंथालयां कडल्यान साधनसामुग्री फावो जाल्ले खातीर थंय वावुरतल्यांक दिनवासणेच्या झेल्यांत विणटां.

फा. आंतोनियु सालेमा, फा. आग्नेल फेर्नांदीश, फा. जेरोम द सिल्वा, फा. रामिरु लुईस, फा. रोमान रुद्रिगीश आनी म्हजे बाराबरच्या पाद्रींनी म्हाका संदांच उर्बा दिल्या. प्रा. धर्मा चोडणकार, प्रा. मेग्डालीन डिसौजा, प्रा. रमिता गुरव, प्रा. सिल्वेस्टर व्हाज, मेलिसा सिमोंयश, जॉन नोरोन्य, सुप्रिया कणकुंबिकार, सविधा तळेकार, मायरा विऐरा, एडवर्ड दिसौज ह्या म्हज्या इश्टां-मित्रांनी म्हाका आपलो आदार दिला. तशेंच अंकिता जांबावलीकार, मार्लेना फेर्नांदीश, मारिया दिसौज, उचिता शेटये ह्या म्हज्या विद्यार्थ्यांचो

म्हाका पालव मेळ्ळा. दामोदर धाणेकार हांणी शुध्दलेखन तपासून दिले खातीर तांचे उपकार मानतां. म्हजीं घरचीं, आवय, भावंडां आनी हेर लागशिल्ल्यांचो म्हाका तेंको फावो जाला. तांचेर सगळ्यांचेर देवाचो आशिर्वाद  आसूं अशें मागतां.

# सारांश

17 एप्रील 1892 ह्या दिसा मुंबयच्या न्यू आल्फ्रेड थेटरांत *सुरू जाल्लो* तियात्र आतां गोंयांत इतलो फामाद आसा की ताचे 'पॉप्युलरिटी'ची सर गोंयांतल्या दुसऱ्या खंयच्याच नाट्यप्रकारा कडेन करूंक जमना. अशें आसलें जाल्यारूय शास्त्रीय पद्दतीन तियात्राचो अभ्यास खूब कमी प्रमाणांत जाल्लो आसा तें जाणवता. गोंयांत पदवी आनी पदयुत्तर शिक्षणीक पांवड्यार तियात्र विशयाचेर तीन पेपर शिकयतात. विद्यार्थी तियात्र विशय शिकतना तांकां संदर्भा खातीर फावो तितली साधनसामुग्री मेळना. प्रस्तूत सोदवावरा वरवीं विद्यार्थांक लाव जातलो अशी अपेक्षा आसा.

तियात्राच्या साहित्यीक मळार पीएच्. डी. खातीर आयज पासून पुरायपणीं एकाच तियात्रिस्ताचेर केंद्रीत आशिल्ल्लो अभ्यास जाल्लो ना. तोमाझिन्यु कार्दोज ह्या तियात्रिस्ताच्या तियात्रांतलें समाज जीवन चित्रीत करपी हो पयलो चिकित्सक अभ्यास.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी तियात्रांची 17 पुस्तकां उजवाडाक हाडल्यांत. ह्या पुस्तकांनी सगळे मेळून 21 तियात्र छापून आयल्यात. आयज मेरेन तोमाझिन्यु कार्दोजा इतले तियात्र कोणेंच उजवाडाक हाडिल्ले नात. अशाच तियात्रिस्ताची दखल घेवन तांच्या तियात्रांचेर अभ्यास जावप गरजेचें अशें दिसलें.

तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्लें समाज जीवन खरेंच गोंयच्या समाजाचें आसा व्हय? पडबिंबीत केल्लें समाज जीवन वास्तवीक आसा वा काल्पनीक आसा? तांणी प्रदर्शीत केल्लें समाज जीवन गोंयांत आशिल्ल्या सगळया समाजाक आसपावून घेता वा फकत एकाच समाजाचेर केंद्रीत आसा? अश्या कांय म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर उजवाड घालपाची मोख आसा.

हो अभ्यास फुडें व्हरतना पयले सुवातेर तोमाझिन्यु कार्दोज तियात्रिस्त म्हूण उजवाडाक हाडलां. फुडें मागीर ‘समाज’ आनी ‘जीवन’ ह्या दोन उतरांची फोडणिशी करून समाजीक, राजकी, अर्थीक, धर्मीक आनी संस्कृतीक ह्या समाज जीवनाच्या खाशेल्या घटकांचें विश्लेशण केलां.

लेखकान मुखेलपणान गोंयच्या समाजाचें वास्तवीक रूप माचयेर प्रदर्शीत केलां. लेखकान चित्रायल्लीं 90% कुटुंबां गोंयच्या क्रिस्तांव समाजांतलीं आसात. लेखकान जशीं पाद्रींचीं अनेक पात्रां चित्रायल्यांत तशीं भटांचीं आनी मौलानांचीं पात्रां नदरेक पडनात. तांच्या तियात्रांनी क्रिस्तांव समाजाची संस्कृती पडबिंबीत जाल्ली आसा. हाका लागून तांचे *‘तियात्र: गोंयच्या समाजाचो हारसो’* म्हणचे परस क्रिस्तांव समाजाचो हारसो अशें म्हणप योग्य थारता.

*‘तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन’* हो माथाळो अभ्यासतना ह्या विशयाची खोलाय फुडल्या अभ्यासाक वाट उकती करता ती अशी: तियात्रांचो भाशीक नदरेंतल्यान अभ्यास, तियात्रांत आयिल्ल्या विचारांचें विश्लेशण, तियात्रांतली अस्तुरेची आनी दादल्याची प्रतिमा, तियात्रांत आसपाविल्ल्या पात्रांचें मानसशास्त्रीय अध्ययन.

# मांडावळ

**प्रकरण 1.**

**विशय वळख**........................................................................... 1-18

1.1 प्रस्तावना ........................................................................... 1-1

1.2 तियात्र विशयाचेर हो प्रबंध कित्याक? ................................................... 1-7

1.3 तोमाझिन्यु कार्दोज ह्याच तियात्रिस्ताचेर अभ्यास कित्याक? ........................ 7-10

1.4 अभ्यासाक घेतिल्ल्या तियात्रांची वळख ................................................ 10-10

1.4. 1 कांटेच कांटे ........................................................................... 10-10

1.4. 2 उतरां आनी करण्यो ................................................................. 10-10

1.4. 3 हांवूच तो ........................................................................... 11-11

1.4. 4 इश्ट ........................................................................... 11-11

1.4. 5 इन्स्पॅक्टर ........................................................................... 11-11

1.4. 6 आयचो समाज ........................................................................... 11-11

1.4. 7 काळोख आनी उजवाड ........................................................... 12-12

1.4. 8 अंतस्कर्ण आनी कायदो ...........................................................12-12

1.4. 9 भुरगीं आमची गिरेस्तकाय ................................................... 12-12

1.4. 10 झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय ............................................ 12-12

1.4. 11 म्होंवाळ वीख .................................................................. 13-13

1.4. 12 समाज सेवा ........................................................................ 13-13

1.4. 13 आमी सगळे एक ................................................................ 13-13

1.4. 14 हॅलो आंकल ...................................................................... 13-14

1.4. 15 अर्थ ..................................................................................... 14-14

1.4. 16 सांखळ्यो .......................................................................... 14-14

1.4. 17 दिता तशें घेता .................................................................. 14-14

1.4. 18 नोवी दिशा ........................................................................ 15-15

1.4. 19 गोवा.. गोईंग..गॉन? ........................................................... 15-15

1.4. 20 एक्सिडण्ट ........................................................................ 15-15

1.5 प्रबंधाची गरज आनी उद्देश ................................................................ 15-16

1.6 आवाठ आनी मर्यादा .......................................................................... 16-17

1.7 सोदवावराची पद्दत ............................................................................. 17-18

1.8 प्रबंधाची मांडावळ ............................................................................ 18-18

**प्रकरण 2.**

**तोमाझिन्यु कार्दोज हांचें जीवन आनी कर्तृत्व** ........................................ 19-79

2.1 प्रस्तावना ........................................................................ 19-20

2.2 कुटुंबाची वळख ...................................................................... 20-20

2.2.1 बापाय विशीं ........................................................................ 21-21

2.2.2 आवय विशीं ........................................................................ 21-21

2.2.3 तांचें काजारी जिवीत ........................................................ 22-22

2.3 जल्म आनी भुरगेंपण ........................................................ 23-25

2.4 शिक्षण ........................................................................ 25-25

2.5 घरसंवसार ........................................................................25-29

2.6 तोमाझिन्यु कार्दोज हांचीं अनेक रुपां .............................................. 30-30

2.6.1 शिक्षक ........................................................................ 30-34

2.6.2 लेखक ........................................................................ 34-34

2.6.2.1 कवी ........................................................................ 34-36

2.6.2.2 निबंदकार ........................................................................ 36-37

2.6.2.3 कथाकार ........................................................................ 37-37

2.6.2.4 एकांकीकार ........................................................................ 37-38

2.6.3 सरपंच ........................................................................ 38-39

2.6.4 राजकारणी ........................................................................ 39-40

2.6.5 भाशा भक्त ........................................................................ 40-42

2.6.6 खेळगडी ........................................................................ 42-43

2.6.7 पत्रकार ........................................................................ 43-44

2.6.8 मांडो मोगी ........................................................................ 45-45

2.7 तोमाझिन्यु कार्दोज: एक तियात्रिस्त ................................................ 46-46

2.7.1 सुरवात ........................................................................ 46-47

2.7.2 गांवच्या भुरग्यांक घेवन तियात्र .......................................... 48-48

2.7.2.1 घुंवपी माची ........................................................ 48-48

2.7.2.2 साडयांचो पड्डो .................................................... 48-49

2.7.3 कला अकादमी तियात्र सर्ती खातीर नवेपणां ...................... 49-50

2.7.3.1 बल्बाचो वापर ...................................................... 50-50

2.7.3.2 छाया प्रतिमेचो उपेग ................................................ 50-50

2.7.3.3 पात्रांची वळख करप ................................................ 50-51

2.7.3.4 फ्लॅशबॅक ........................................................ 51-51

2.7.3.5 हिंदू पात्रांची भुमिका .............................................. 51-51

2.7.3.6 दोन पर्यायां मदीं पात्राची शिरकणी ................................ 51-51

2.7.3.7 पात्रां गोठोवप ........................................................ 52-52

2.7.3.8 संकेत योजना ........................................................ 52-52

2.7.3.9 एकूच माचये वेवस्था ................................................ 52-52

2.7.3.10 पार्श्र्वसंगीत ........................................................ 52-52

2.7.3.11 सुरवात आनी शेवट .............................................. 53-53

2.7.3.12 भुरग्यांली रंगमाची ................................................ 53-53

2.7.4 तियात्रांक मेळिल्लीं इनामां ............................................... 53-54

2.7.5 तियात्र पुस्तक रुपान ........................................................ 54-56

2.7.6 तोमाझिन्यु कार्दोजाचे तियात्र वेवसायीक मळार .................... 56-57

2.8 वेगवेगळया संस्थांनी केल्लो वावर आनी पदां .................................. 57-57

2.8.1 सायपें स्पोर्ट्स क्लब .........................................................57-57

2.8.2 कांदोळेचीं किर्णां .............................................................. 58-58

2.8.3 कला मोगी कांदोळीं ........................................................ 58-58

2.8.4 ऑल गोवा पंचायत परिशद .............................................. 58-58

2.8.5 इंडियन स्टुडण्ट ऐड फावण्डेशन ......................................... 59-59

2.8.6 दाल्गादो कोंकणी अकादमी ............................................... 59-59

2.8.7 तियात्र अकादमी गोवा .................................................... 59-60

2.8.8 शिक्षक आनी मुख्याध्यापक ............................................. 60-60

2.9 तोमाझिन्यु कार्दोज हांची विचारसरणी ........................................... 60-60

2.9.1 शिक्षण क्षेत्र .................................................................. 61-68

2.9.2 समाजीक परिस्थिती ....................................................... 68-74

2.9.3 राजकारण .................................................................... 74-76

2.9.4 कला आनी संस्कृताय ..................................................... 76-78

2.10 पुरस्कार आनी भोवमान ............................................................ 78-79

2.11 निश्कर्श ................................................................................. 79-79

**प्रकारण 3.**

**समाज जीवन व्याख्या, अर्थ, स्वरूप, खाशेलपणां आनी घटक..........** 80-104

3.1 प्रस्तावना ................................................................................ 80-80

3.2 समाज: व्याख्या आनी अर्थ ...........................................................80-84

3.3 जीवन: व्याख्या आनी अर्थ .......................................................... 84-85

3.4 समाजाचें स्वरूप ........................................................................ 85-87

3.5 मनीस: समाजाचो केंद्रबिंदू .......................................................... 88-91

3.6 समाजाचीं खाशेलपणां ...................................................................92-96

3.7 समाज जीवनाचे घटक .................................................................. 96-97

3.7.1 समाजीक ......................................................................... 97-99

3.7.2 राजकी ............................................................................ 99-100

3.7.3 अर्थीक ............................................................................ 101-101

3.7.4 धर्मीक ............................................................................. 101-102

3.7.5 संस्कृतीक ........................................................................ 103-104

3.8 निश्कर्श .................................................................................. 104-104

**प्रकरण 4.**

**तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन: समाजकारण........**105-160


4.1. प्रस्तावना ........................................................................ 105-105

4.2 कुटुंबीक नातीं ..........................................................……..105-105

4.2.1 घरकार-घरकान्न ........................................................ 105-110

4.2.2 पालक-भुरगीं .............................................................. 110-114

4.2.3 मोगाचीं वेग वेगळीं नातीं ............................................. 114-114

4.2.3.1 धर्मीक शीम हुपून वचपी मोग ......................……..114-115

4.2.3.2 जातीची फास्की मोडपी मोग ......................……..115-116

4.2.3.3 गरीब-गिरेस्त भेदभाव ना करपी मोग ........................116-117

4.2.3.4 ढोंगी-भोगी मोग ................................................ 117-118

4.2.3.5 आव्हानांक फुडो करपी मोग ................................ 118-119

4.2.3.6 प्रखर मोग .................................................... 119-121

4.2.4 सून-सासुमांय .............................................................. 122-122

4.3 समाजीक प्रस्न ......................................................................123-123

4.3.1 भाटकार-मुंडकाराचो संघर्श ........................................... 123-125

4.3.1.1 गोंय, दमण आनी दीव मुंडकार कायदो, 1975…….. 125-130

4.3.1.2 गोंय, दमण आनी दीव कूळ कायदो, 1964 ............ 130-132

4.3.2 येरादारी वेवस्थेचें राष्ट्रीकरण .......................................... 132-133

4.3.3 रांपणकार आनी ट्रॉलरकार .............................................. 133-135

4.3.4 बिगर गोंयकार ..............................................................135-139

4.3.5 परदेशांत वचपी गोंयकार ................................................... 139-142

4.4 अस्तुरेचीं रुपां ....................................................................... 142-142

4.4.1 अशिक्षीत आनी शिक्षीत .................................................. 142-143

4.4.2 समाज सेविका ................................................................. 143-144

4.4.3 राजकी फुडारी ..................................................................144-144

4.4.4 भ्रश्टाचाराक विरोध करपी ...............................................145-145

4.4.5 शिंदळकी करपी ............................................................. 145-145

4.4.6 एवेचे आनी मारियेचे रूपकार ........................................... 146-146

4.4.7 ढोंगी ........................................................................... 146-147

4.4.8 कुटुंबीक आनी समाजीक ................................................ 148-148

4.4.9 तरणाटे अस्तुरेचें रूप .......................................................148-148

4.4.10 वावर-धंदो .....................................................................148-149

4.5 दादल्यांचीं रुपां ................................................................... 149-149

4.5.1 शिक्षीत ....................................................................... 150-150

4.5.2 बरे आनी वायट समाज सेवक ........................................... 150-151

4.5.3 राजकी फुडारी ............................................................... 151-151

4.5.4 सताचे आनी फटीचे प्रचारक ............................................ 151-152

4.5.5 कामवासनी ............................................................................ 152-153

4.5.6 अपंगूळ ............................................................................ 153-153

4.5.7 सोंशीक दादलो ............................................................................ 154-154

4.5.8 नायक आनी खलनायक स्वरुपी ............................................ 154-154

4.5.9 वेग वेगळ्या वेवसायांनी ............................................ 155-155

4.5.10 भोगसणें दिवपी ............................................................................ 155-156

4.6 निश्कर्श ............................................................................ 156-160

**प्रकरण 5.**

**तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन : राजकारण** 161-196

5.1 प्रस्तावना ............................................................................ 161-161

5.2 राजकी संदर्भांत तियात्राची फाटभूंय ............................................ 161-162

5.3 वेंचणुकेंत भ्रश्ट चाली ............................................................................ 163-163

5.3.1 उमेदवारी फाटीं घेवपाक हांयस ............................................ 163-164

5.3.2 मतदारांक भुलोवणी ............................................................................ 165-167

5.3.3 धर्माच्या नांवान प्रचार ............................................................................ 167-168

5.3.4 भाशेच्या नांवान प्रचार ............................................................................ 168-169

5.3.5 गुंडगिरीचो वापर ............................................................................ 169-171

5.3.6 पुलिसांचो गैरउपेग ............................................................................ 171-172

5.4 राजकी फुडाऱ्यांचीं रुपां ............................................................................ 172-173

5.4.1 समाजाचें बरेपण केंद्रस्थानार दवरपी .................................. 173-173

5.4.2 सेवेचो भोवमान करपी ...................................................... 174-174

5.4.3 शिक्षीत ........................................................................ 174-175

5.4.4 नोकऱ्यो विकपी ......................................................... 175-176

5.4.5 जातीवादी ................................................................... 176-176

5.4.6 फूट घालपी ................................................................. 176-177

5.4.7 पक्षपाती ..................................................................... 177-178

5.4.8 भ्रश्टचारांत बुडून रावपी ................................................ 178-179

5.4.9 दोन तोंडांचे ................................................................ 179-179

5.4.10 अपराधी .................................................................. 180-180

5.4.11 कायदे मोडपी ........................................................... 180-181

5.4.12 आश्वासनां दिवन तीं मोडपी ........................................... 181-182

5.5 राजकारणांतले परिणामकारी घटक ................................................ 183-183

5.5.1 धर्मीक फुडारी ............................................................. 183-185

5.5.2 तरणाटी पिळगी ............................................................. 185-185

5.5.2.1 तरणाट्यांचो संघर्श .................................................. 185-187

5.5.2.2 राजकी फुडाऱ्यांच्या भुरग्यांची वागणूक........................... 187-188

5.5.2.3 तरणाट्यां कडल्यान राजकारणाक नवी दिशा..................... 189-189

5.5.2.3.1 नाकारपाचो अधिकार ................................... 189-191

5.5.2.3.2 फाटीं आपोवपाचो अधिकार ............................ 191-193

5.5.3 राजकारणांत व्यापारी वा उद्देगपतींचो प्रभाव............................ 193-194

5.5.4 राजकारणांत स्थलांतरितांचो वांटो ........................................ 194-195

5.6 निश्कर्श ......................................................................................195-196

**प्रकरण 6.**

**तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन: धर्मकारण**.....197-239

6.1 प्रस्तावना ....................................................................... 197-197

6.2 गोंयचे धर्मीक परिस्थितीचो रूपकार................................................ 197-197

6.2.1 धर्म आनी देव संकल्पना ....................................................198-200

6.2.2 धर्मीक एकचार ............................................................. 200-202

6.2.3 धर्मवाद ........................................................................... 202-204

6.2.4 आंतरधर्मीक विचार ........................................................ 204-206

6.2.5 देवशास्त्रीय प्रस्न ........................................................... 207-209

6.2.6 मनीस मेले उपरांत ........................................................... 210-212

6.3 क्रिस्तांव धर्माचें चित्रण ................................................................ 212-214

6.3.1 संस्कार वा साक्रामेंत ....................................................... 214-214

6.3.1.1 पवित्र स्नान वा बावतिज्म ........................................... 214-215

6.3.1.2 पयलो कुमुन्यांव ...................................................... 215-216

6.3.1.3 प्रायश्चीत संस्कार वा कुमसार ....................................216-216

6.3.1.4 पिडेस्तांची माखणी वा संतेसांव .................................. 216-217

6.3.1.5 लग्न संस्कार वा काजार ............................................ 217-218

6.3.2 मिसा बलिदाना विशींची मानसीकताय ..................... ……..218-221

6.3.3 पाद्रीचीं रुपां ..................................................................222-222

6.3.3.1 अंतस्कर्णाची वाट दाखोवपी ....................................... 222-223

6.3.3.2 राजकारणांत वांटो घेवपी ............................................ 223-223

6.3.3.3 बुजवण दिवपी ....................................................... 224-224

6.3.3.4 शिंदळकी करतल्याक निटायेर हाडपी ............................. 224-225

6.3.3.5 प्रस्न सुटावो करूंक मार्गदर्शन करपी................................225-226

6.3.3.6 लांब सेर्मांव सांगून कंठाळो हाडपी.................................. 226-226

6.3.3.7 संस्कारांक पयलो क्रम दिवपी.........................................227-227

6.3.3.8 व्हंकल-न्हवऱ्याक त्रास करपी......................................... 227-228

6.3.4 क्रिस्ती देवोसांवां ........................................................... 228-228

6.3.4.1 तेर्साचें मागणें ......................................................... 228-229

6.3.4.2 आयमोरेचें मागणें ...................................................... 229-231

6.3.4.3 लादाइनीचें देवोसांव .................................................. 231-232

6.3.4.4 पेरपेत सुकूर सायबिणीचें देवोसांव .................................. 232-233

6.3.4.5 गोंयच्या सायबाचें देवोसांव............................................ 233-233

6.3.4.6 सांता खुरसाचें देवोसांव ............................................... 234-234

6.3.5 दयाळ करण्यांचें पालन ..................................................... 234-237

6.4 निश्कर्श ........................................................................... 237-239

**प्रकरण 7**

**तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन: अर्थकारण**..240-268

7.1 प्रस्तावना ........................................................................ 240-240

7.2 अर्थीक वर्गीकरण ........................................................... 240-245

7.3 पर्यटकां संदर्भांत ............................................................... 245-248

7.4 घुंवळे वखदांचो वेपार .......................................................248-250

7.5 शिंदळकेचो वेवसाय ........................................................ 251-254

7.6 स्थलांतराचे परिणाम ........................................................ 254-256

7.7 सावकारी ..........................................................................256-257

7.8 लांच दिवप-घेवप ............................................................. 257-258

7.8.1 ब्लॅकमेल ........................................................................ 258-259

7.8.2 पयशेकारांचो राजकारणाचेर प्रभाव ....................................259-262

7.8.3 नोकरी-विकरी ................................................................. 263-264

7.8.4 स्मग्लींग: चोरयां वेव्हार..................................................... 264-266

7.9 निश्कर्श ........................................................................... 267-268

**प्रकरण 8**

**तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन: संस्कृताय**.... 269-296

8.1 प्रस्तावना ........................................................................ 269-269

8.2 भास: एक संस्कृतीक दायज ........................................................ 269-277

8.3 न्हेसण ..............................................................................277-278

8.4 परंपरीक वेवसाय ..................................................................... 279-280

8.5 खाण-जेवण ........................................................................ 280-281

8.6 फेस्तां-परबो आनी हेर सुवाळे ...................................................... 281-281

8.7 परंपरीक गितां ......................................................................282-282

8.8 चाली-रिती आनी समज ..............................................................282-282

8.8.1 काजारा संबंदीं ............................................................ 282-283

8.8.1.1 सोयरीक ...................................................... 283-283

8.8.1.2 काजाराचें उलोवप ............................................283-284

8.8.1.3 होर भितर काडप ............................................ 284-284

8.8.1.4 परतणें ........................................................... 284-285

8.8.2 मरणा संबंदीं ................................................................ 285-285

8.8.2.1 बुजवण दिवपाची चाल .................................... 285-286

8.8.2.2 मरणा विशीं आचार आनी समज ......................... 286-287

8.8.3 वाडदीस मनोवपाची चाल ............................................. 288-288

8.8.4 घरांत सोरो पियेवपाची चाल ............................................ 288-289

8.8.5 भुतां विशीं समज ........................................................ 289-291

8.9 नांवां-आडनांवां ........................................................................ 291-293

8.10 नातीं आनी तांचीं नांवां ............................................................. 293-294

8.11 निश्कर्श ........................................................................................ 294-296

**प्रकरण 9.**

**निश्कर्श** ....................................................................................... 297-306

**संदर्भ वळेरी** ................................................................................. 307-320

**परिशिश्टां** .................................................................................... 321-369

# प्रकरण 1

# विशय वळख

## 1.1. प्रस्तावना

*'तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन'* ह्या सोदवावराच्या माथाळ्या संबंदीं अनेक प्रस्न मनांत येवं येतात. हो प्रबंध तियात्र विशयाचेर कित्याक? कितलेशेच तियात्रिस्त आसात पूण तोमाझिन्यु कार्दोज हांकां कित्याक निवडला? तियात्राच्या अनेक घटकांचेर अभ्यास  करूं येता पूण हो अभ्यास समाज जीवन ह्या घटकाचेर कित्याक? हो अभ्यास करपा फाटलो हेतू कितें? ह्या प्रबंधाचो अभ्यास कितले मेरेन मर्यादीत आसा? हो प्रबंध फुडें व्हरतना कसली पद्दत वापरल्या? अश्या अनेक प्रस्नांच्यो जापो दितना पयले सुवातेर 'तियात्र विशयाचेर हो प्रबंध कित्याक?' हो प्रस्न घेतां.

## 1.2. तियात्र विशयाचेर हो प्रबंध कित्याक?

'तियात्र' हें उतर पुर्तुगेज भाशेंतल्या 'तियात्रु' ह्या उतरांतल्यान आयलां. इंग्लीश भाशेंत हाका 'थिएटर' म्हणटात. 'तियात्र' ह्या उतराची अशी फोडणिशी प्रकाश थळी हांणी *'तियात्राचो इतिहास'* ह्या पुस्तकांत केल्ली आसा. ''तियात्र हो एक देशी भाशेंतल्यान फुलपी पूण अस्तंती संस्कृताय आनी दायज चलोवपी एक प्रभावी नाट्यप्रकार'' (थळी11) अशें त्याच पुस्तकांत प्रकाश थळी बरयतात.

पुर्तुगेज तियात्रा भाशेन कोंकणींतूय तियात्र आसचो हे भावनेन भरिल्ल्या मुंबय स्थायीक जाल्ल्या गोंयकारांनी जागोराक विटून आनी ऑपेरांतल्यान स्फूर्त घेवन तियात्र हो

नाट्यप्रकार जल्माक हाडपाचो हावेस बाळगिलो (Fernandes 12). ह्याच हावेसान लुकाझिन्यु रिबैरु हांणी गोंझालेज ब्रदर्स हांच्या इटालियन ऑपेराचो कोंकणींत अणकार करून 17 एप्रील 1892 ह्या दिसा न्यू आल्फ्रेड थेटरांत *'इटालियन भुरगो'* हो पयलो तियात्र सादर केलो. हो तियात्र 'गोवा-पुर्तुगेज ड्रामाटीक कंपनी' ह्या पंगडाच्या नांवान माचयेर हाडलो. तियात्राची सुरवात अशी *'इटालियन ऑपॅरा'* कडल्यान जाली.

तियात्राक स ते सात पड्डयांचें बंधन आसता तशें नाटकाक आसना. नाटकाक अंक आसतात पूण नाटकाक अमकेच अंक आसचे असो दबाव आसना. तियात्रांत कांतारांचो आसपाव आसता. हीं कांतारां वेग वेगळया प्रकाराचीं जशीं सोलो, ड्युएट, दुवो, त्रिवो, चोवको, आनी कोरल अशीं आसचीं पडटात. तीं गितां गायतना वाद्यां वाजोवप जाता. सेक्साफोन, ट्रंपेट, ड्रम, किबोर्ड, आनी बेझ गिटार अश्या वाद्यांचो वापर जाता. कांतारां तियात्राचो प्राण जावन वावुरतात. हे तरेची आगळी-वेगळी चाल नाटकाक लागना. तियात्राचीं कांतारां कथानका कडेन संबंदीत आसनात पूण तियात्राचे कांत नाटकांतल्या पदां भाशेन कथानका कडेन संबंदीत आसतात. तियात्रांत कॉमेडी आसचीच पडटा, कारण कॉमेडी तियात्राचें एक घटकतत्व. नाटकाक कॉमेडीचें तशें बंधन आसना. अश्या तरांच्या वेगळेपणांची म्हायती फा. लुईस गॉमीश हाणें *'कोंकणी नाटक आनी तियात्र: कांय वेगळेपणां'* ह्या लेखांत नोंद केल्या (गॉमीश 35-36).

नाटकाचे आनी तियात्राचे कांय घटक एकसारकेच आसतात पूण वयर उल्लेख केल्यात ते तियात्राचे घटक (पड्डे, कांतारां आनी विनोद) तियात्राचें खाशेलेपण उबारून धरतात. घटकांचें हें खाशेलेपण ध्यानांत दवरून डॉ. नंदकुमार कामत *'An Epistemological Interpretation of Tiatr'* ह्या माथाळ्या खाला लेख बरयतना म्हणटात, "तियात्राचे रचणुकेची आनी सादरीकरणाची बराबरी करपी संवसारांतलो कसलोच नाट्यप्रकार ना." (कामत 23; Tiatr has no match anywhere in the world in its

structure and performance: स्वता केल्लो अणकार).

तियात्र एक उद्देग म्हणप समा आसा अशें म्हणपाक तियात्र कलाकार शेरोन माजारेलो आपल्या लेखांत योग्य कारणां मांडटा. "तियात्राचो एका वर्साचो एकंदर वेव्हार (turnover) फकत गोंयांत 5 क्रूट जाता. दर वर्साक 10 लाखां परस चड प्रेक्षक तियात्राचो आस्वाद घेतात. फकत गोंयांत वर्साक सुमार 2000 प्रयोग जातात. 500 अदीक लोक फकत तियात्राचे येणावळीचेर जगतात. माचयेघराचे धनी, आवाज वेवस्था, वर्तमानपत्रां (जायरात), छापपी, माची-माटोव-कदेलां भाड्यान दिवपी...हे सगळे आपल्या  वेवसाया खातीर तियात्राचेर निंबून आसतात. तियात्र वर्साक कितलेशे नवे कलाकार, नवे संगीतकार, नवे लेखक, नवे दिग्दर्शक उत्पन्न करता " (Mazarelo 50).   हें संख्याचित्र 2005 वर्सांतलें. हें संख्याचित्र बदल्लां. "वर्साक तियात्राचे 4000 अदीक प्रयोग जातात अशें तियात्र अकादमी, गोंय हे संस्थेचे उपाध्यक्ष विलयम फेर्नांदीश हाणें खासगी मुलाखत दितना सांगलें (फेर्नांदीश). 2005 वर्सा तियात्राची जी अर्थीक परिस्थिती आशिल्ली ती 2018 वर्सा दुपेट जाल्या तें नियाळून तियात्र खरेंच एक उद्देग म्हणप योग्य आसा.

तियात्र फकत गोंया पुरतोच मर्यादीत ना. वर्साक 500 अदीक तियात्रांचे प्रयोग राष्ट्रीय तशेंच आंतरराष्ट्रीय मळार जातात ही एक दखल घेवपा सारकी गजाल. देखून तियात्र हो राष्ट्रीय तशेंच आंतरराष्ट्रीय मळार पाविल्लो नाट्यप्रकार.

तियात्रिस्तांच्या वावराची दखल घेवन गोंय सरकार तांकां पुरस्कार दिता. तियात्रांचे बरपावळी खातीर गोंय सरकाराचो पुरस्कार मेळपी पयली व्यक्ती म्हणल्यार तोमाझिन्यु कार्दोज. तियात्रिस्त गोंय सरकाराचे पुरस्कार तर मेळयतातूच, पूण राष्ट्रीय पांवड्या वयले पुरस्कार मेळोवपी जावंक पावल्यात.  तियात्र माचयेर 'एम बॉयर' ह्या नांवान

प्रसिध्दीक पाविल्ल्या मानुएल सांतान आगियार हांकां 1994 वर्सा *'संगीत नाटक अकादेमी पुरस्कार'* हो राष्ट्रीय पांवड्या वयलो पुरस्कार फावो जालो. फुडें 2005 वर्सा ह्याच तियात्रिस्ताक भारत सरकाराचो *'पद्मश्री पुरस्कार'* प्राप्त जालो. तियात्र मळार सिजर द मेलु हे आनीक एक म्हत्वाचे तियात्रिस्त. भारत सरकारान तांकां 2021 वर्सा *'राष्ट्रीय गौरव पुरस्कार'* दिवन सन्मानीत केल्यात. ह्या तियात्रिस्तांनी तियात्र मळार दिल्ल्या योगदाना खातीर हे पुरस्कार तांकां फावो जाल्ल्यान तियात्राच्या इतिहासांत ही एक म्हत्वाची घडणूक थारता.

तियात्राचे अभ्यासक तोमाझिन्यु कार्दोज म्हणटात, "तियात्र गोंयांतलो भोव नांवलोकीक मेळिल्लो नाट्यप्रकार. तियात्र गोंयांत इतलो फामाद आसा की ताचे 'पॉप्युलरिटी'ची सर गोंयांतल्या दुसऱ्या खंयच्याच नाट्यप्रकारा कडेन करूंक जमना. हेच खातीर शारांनी आनी खेड्यांनी वर्साचे बाराय म्हयने तियात्र माचयेर हाडटात, देखुनूच एका एका तियात्राचे शंबर, दोनशीं वा केन्ना तिनशीं लेगीत प्रयोग मेजक्याच काळांत जातात" (कार्दोज VII). देखीक, प्रिन्स जेकबालो 'पाद्री' तियात्र आनी रोजफन्सालो 'थापोट' तियात्र हांचे तिनशां वयर प्रयोग जाले.

सादरीकरणाचे नदरेन नांवलोकिकाक पाविल्ल्या ह्या नाट्यप्रकाराचो शिक्षणीक नदरेन कितलो अभ्यास जाला? प्रस्तूत सोदवावर फुडें व्हरचे पयलीं ताची दखल घेवप गरजेचें थारता.

भारती नाट्यशास्त्राचे अभ्यासक, पुणें वाठारांतले प्रमोद काळे, हांणी *'Essential and Ephochalist Elements in Goan Popular Culture: A Case Study of Tiatr'* ह्या विशयाचेर सोदवावर केला. 1986 वर्सा शिक्षणीक पद्दतीन केल्लो हो पयलो वयलो अभ्यासपूर्ण सोदवावर अशें मानतात.

1992 वर्सा तियात्राचे शंबरीच्या निमतान गोवा कोंकणी अकादेमीन *'तियात्राचो इतिहास'* (1993) हें पुस्तक प्रकाशीत केलें. ह्या पुस्तकाची बरपावळ प्रकाश थळी हांचे कडल्यान करून घेतली. हें पुस्तक तियात्राच्या इतिहासाचेर उजवाड घालपी पयलें पुस्तक.

1994 वर्सा *'Tiatr ani Tiatrist'* ह्या नांवाचें संकलीत पुस्तक फाउस्त दा कोश्ता हांणी उजवाडाक हाडलें. ह्या पुस्तकाच्या पयल्या भागांत साबार तियात्रिस्तांचे तियात्र विशयक लेख आसपावल्यात जाल्यार दुसऱ्या भागांत वेंचीक तियात्रिस्तांची वळख घडयल्या.

तियात्रिस्त आनी तियात्र अभ्यासक विल्मिक्स विल्सन माजारेलो हांणी *'100 years of Konkani Tiatro'* ह्या नांवाचें पुस्तक बरयलां. गोंयच्या कला आनी संस्कृती खात्यान 2000 वर्सा हें पुस्तक प्रकाशीत केलां. लेखकान ह्या पुस्तकांत तियात्राचो इतिहास सांगला.

2004 वर्सा *'Tiatro: A critical Study'* हो विशय घेवन पुरायपणीं तियात्राचेर पीएच्. डी. करपाचें स्रय डॉ. आंद्रे राफायल फेर्नांदीश हांकां वता. उपरांत 2010 वर्सा तांणी आपलो हो तियात्र विशयक सोदवावर *'When the Curtains Rise'* ह्या नांवान पुस्तक रुपान उजवाडाक हाडलो. ह्या पुस्तकांत तियात्राच्या उगमाचेर लक्ष केंद्रीत करून तशेंच पाय तियात्रिस्ताच्या आनी कांय वेंचीक तियात्रिस्तांच्या वावराचो अभ्यास करून लेखकान आपले विचार मांडल्यात.

2008 वर्सा तियात्र अकादमी गोंय हे संस्थेची उबारणी जाली. तोमाझिन्यु कार्दोज हे संस्थेचे पयले अध्यक्ष जाले आनी तांणी मुळावो वावर केलो. हे अकादमीच्या ग्रंथालयांत अभ्यासकांक फायद्याचें अशें अनेक तरांचें दस्तावेजीकरण केल्लें दिसता.

जॉन गॉमीश (कोकोय) हांचें *'Tiatr Palkhache Khambe'* हें रोमी लिपयेंतलें पुस्तक 2010 वर्सा प्रकाशीत जालें. ह्या पुस्तकांत जे 2010 वर्सा आदीं म्हत्वाचे तियात्रिस्त सोंपून गेल्यात तांच्या तियात्राचो वावर निबंदाच्या रुपान उजवाडाक हाडला.

*'खेळ राजांव'* हें पुस्तक पडवळ प्रकाशनान 2013 वर्सा उजवाडाक हाडलां. ह्या पुस्तकांत पावलु मोरास (मंगळूर) ह्या अभ्यासकान तियात्राचो उगम आनी प्रगती ध्यानांत घेवन आपले विचार व्यक्त केल्यात. तशेंच तियात्र विशयाचेर वेगवेगळे रितीन विश्लेशण केलां.

2016 वर्सा, *'तियात्रांत दिसपी गोंयच्या समाजाचें चित्रण'* हो विशय घेवन डॉ. कॉज्मा फेर्नांदीशान पीएच्. डी.  केली. तियात्र हो गोंयच्या समाजाचो हारसो अशें डॉ. कॉज्मा आपल्या प्रबंधांत स्पश्ट करता. तियात्र विशयाचेर जाल्ली ही दुसरी पीएच्. डी. पूण कोंकणींतल्यान जावपी पयली पीएच्. डी. थारता.

1892 ह्या वर्सा साकून जी तियात्र विशयक बरपावळ वेगवेगळ्या दिसाळ्यांनी, नेमाळ्यांनी आनी मासिकांनी छापून आयल्या ते बरपावळीचें डॉ. कार्लूस फेर्नांदीश आनी सांगाती हांणी संकलन केलां. 'तियात्र माची पार्ट 1' (2017), 'तियात्र माची पार्ट 2' (2018) आनी 'तियात्र माची पार्ट 3' (2020)  अशे तीन खंड प्रकाशीत केल्यात. तिनूय खंडांनी सगळे मेळून 700 लेख आनी 1,420 पानां आसपावल्यांत. ह्या खंडांनी तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्याय लेखांचो आसपाव आसा.

2019 वर्सा तियात्राक 125 वर्सां भरलीं तेन्ना तियात्रिस्तांनी तियात्र माचयेक दिल्ल्या योगदानाची दखल घेवन, *'Tiatr 125th Anniversary'* ह्या नांवान तियात्र अकादमीन पुस्तक प्रकाशीत केलें. सोंपून गेल्ल्या तियात्रिस्तांच्या जीवनाचेर आदारीत आशिल्लें हें पुस्तक तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी संपादीत केलां.

जॉन क्लारु फेर्नांदीश ह्या तियात्रिस्ताचे लेख इंग्लीश दिसाळ्यांचेर छापून येताले ते 2020 वर्सा *'Stalwarts of the Tiatr Stage'* ह्या पुस्तकांत अमर प्रकाशनान उजवाडायले. ह्या पुस्तकांत सोंपून गेल्ल्या नामनेच्या तियात्रिस्तांची नोंद मेळटा. (चत्राय: अदीक म्हायती खातीर *'तियात्रा विशींच्या पुस्तकांची वळेरी'* हें परिशिश्ट पळोवंचें)

2021 वर्सा मेरेन कोंकणी विकिपीडियाचेर तियात्र विशयाचेर 200 अदीक लेखांचो आसपाव आसा. हे लेख खास करून तियात्रिस्तांच्या जीवनाचेर आदारीत आसात. ह्या वावरांत सेंट झेवियर्स महाविद्यालयाच्या (म्हापशें) कोंकणी विभागान फुडारपण घेतलां.

ही वयर उल्लेख केल्ली बरपावळ ध्यानांत घेतली जाल्यार साहित्यीक नदरेंतल्यान तियात्राचो अभ्यास खूब उण्या प्रमाणांत जाल्लो आसा तें स्पश्ट जाता. तियात्र विशयाचेर अनेक आंगांनी अभ्यास जावं येता. हाकाच लागून तियात्र विशयाचेर अभ्यास जावंचो अशें दिसलें.

### 1.3. तोमाझिन्यु कार्दोज ह्याच तियात्रिस्ताचेर अभ्यास कित्याक?

तियात्र मळार कितलेशेच फांकिवंत तियात्रिस्त जावन गेले. तांणी तियात्राक दिल्लें योगदान म्हत्वपूर्ण आसा. एका एका तियात्रिस्ताचेर शास्त्रीय पद्दतीन अभ्यास जावप काळाची गरज आसा. अश्या तियात्रिस्तांची वळेरी लांब आसा म्हणटकच, 'तोमाझिन्यु कार्दोज ह्याच तियात्रिस्ताचेर अभ्यास कित्याक?' हो प्रस्न उप्रासता.

शिक्षक, लेखक, राजकारणी, सरपंच, तियात्रिस्त अशीं अनेक रुपां आशिल्लें व्यक्तिमत्व म्हणल्यारूच कांदोळी गांवचे तोमाझिन्यु कार्दोज. 11 वर्सांचे आसतना *'अद्रुश्टी जिवीत'* ह्या आपल्या भावाच्या तियात्रांत पयलेच पावट माचयेर पावले. फुडें मागीर 1964 वर्सा *'खाशा भयण'* हो तांणी आपलो पयलो तियात्र सादर केलो. तांणी 2021

वर्सा मेरेन 40 तियात्र माचयेर सादर केल्यात *('तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांची वळेरी'* हें परिशिश्ट पळोवंचें).

*म्होंवाळ वीख, कांटेच कांटे, झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय, आमी सगळे एक, गोवा.. गोईंग.. गॉन?, समाज सेवा, भुरगीं आमची गिरेस्तकाय, हॅलो आंकल* हे तांचे नामनेक पाविल्ले तियात्र.

तांणी आपले चडशे तियात्र कला अकादमीचे तियात्र सर्ती खातीर बरयल्यात. 2021 वर्सा मेरेन तांणी एकूण 46 तियात्र सर्तींतल्या 32 सर्तींनी भाग घेतला. आयज मेरेन तांणी इनामां मेळोवन घेतल्यांत तीं अशीं आसात:

सादरीकरणा खातीर (Best Performance): 8 फावटीं 'पयलें इनाम', 4 फावटीं 'दुसरें इनाम' आनी 5 फावटीं 'तिसरें इनाम' अशीं इनामां मेळोवन घेतल्यांत. दिग्दर्शना खातीर (Best Direction): 9 फावटीं 'पयलें इनाम', 5 फावटीं 'दुसरें इनाम' आनी 1 फावट 'तिसरें इनाम' अशीं इनामां प्राप्त केल्यांत. बरपावळी खातीर (Best Script): 8 फावटीं 'पयलें इनाम', 7 फावटीं 'दुसरें इनाम' आनी 1 फावट 'तिसरें इनाम' अशीं इनामां मेळयल्यांत (*'कला अकादमी तियात्र सर्तींची इनाम वळेरी'* हें परिशिश्ट पळोवंचें).

ही इनामांची वळेरी ध्यानांत घेतली जाल्यार तोमाझिन्यु कार्दोजान जितलीं इनामां मेळयल्यांत तितलीं कोणेंच मेळयल्लीं नात. तोमाझिन्यु कार्दोजान 16 फावटीं बरपावळी खातीर इनामां जिखल्यांत ते वरवीं ते एक दर्जेदार लेखक म्हणपाचें स्पश्ट जाता.

1892 ते 2021 वर्सा मेरेन तियात्रांचीं वट्ट 116 पुस्तकां (तशेंच खेळ तियात्राचीं 09 पुस्तकां) प्रकाशीत जाल्यांत (सगळीं मेळून 125). तातूंतलीं देवनागरींतलीं फकत 11 पुस्तकां सोडलीं जाल्यार उरिल्लीं सगळीं पुस्तकां (105) रोमी लिपयेंत आसात. ह्या संदर्भांत तियात्र रोमी लिपयेंतल्यान फुलपी साहित्यप्रकार म्हणपाक वाव मेळटा

(*'तियात्राच्या पुस्तकांची वळेरी'* हें परिशिश्ट पळोवंचें). 1964 ते 2021 वर्सा मेरेन तोमाझिन्यु कार्दोजान तियात्राचीं 17 पुस्तकां उजवाडाक हाडल्यांत ( *'तामाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांच्या पुस्तकांची वळेरी'* हें परिशिश्ट पळोवंचें). ह्या पुस्तकांनी सगळे मेळून 21 तियात्र छापून आयल्यात. आयज मेरेन तोमाझिन्यु कार्दोजा इतले तियात्र कोणेंच उजवाडाक हाडिल्ले नात. ते फकत तियात्र बरोवपीच न्हय, ते तियात्रांत अभिनय करतात, कांतार गायतात आनी तियात्राचें दिग्दर्शनूय करतात. ह्या अभ्यासा खातीर मात तांचो लेखक ह्या नात्यान अभ्यास केला.

दुसरे सुवातेर, तांणी कला अकादमीचे तियात्र सर्तींनी जैत मेळयलें तशें आयज मेरेन कोणेंच मेळयिल्लें ना. ते फकत तियात्रिस्तूच न्हय तर ते एक अभ्यासकूय आसात. अशा तियात्रिस्ताची दखल घेवन तांच्या तियात्रांचेर अभ्यास जावप योग्य अशें दिसलें. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांचेर कित्याक अभ्यास करप हाचेर उजवाड घाले उपरांत रोखडोच 'समाज जीवन ह्या विशयाचेर कित्याक?' अशे तरेचो प्रस्न उबो रावता.

"तियात्र हें गोंयच्या जिविताचें एक खाशेलें आंग. तो क्रिस्तांव समाजाचो हारसो. हो समाज तातूंत आपलें रूप नियाळटा, आपल्या आपणाक हांसयता, आपल्या आपणाक रडयता. पूण तो फकत हारसोच न्हय तर ती एक शाळा, दुश्ट मनशांचीं धोंगांपोंगां उकतीं करता, पिश्यांक खुबळायता आनी नश्ट्यांक चिमटायता" अशें मत मनोहरराय सरदेसाय *'तियात्राचो इतिहास'* ह्या प्रकाश थळीच्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरयतना व्यक्त करतात. (सरदेसाय 5) "तियात्र गोंयच्या समाजाचो हारसो" (कार्लूस II) अशेच तरेचें मत डॉ. कार्लूस फेर्नांदीशान *'तियात्र माची - 1'* ह्या पुस्तकांत उकतायलां. तोमाझिन्यु कार्दोजूय ह्याच मता कडेन सहमत जाल्लो दिसता. *'तियात्र गोंयच्या समाजाचो आरसो'* ह्या माथाळ्या खाला तांणी पांच खंड उजवाडाक हाडल्यात. ह्या पांचूय खंडांनी सगळे मेळून 20 तियात्रांचो आसपाव आसा. अशे तरेन तियात्र पुस्तक रुपान प्रकाशीत करपी ते

पयले लेखक. तांणीय तियात्राक गोंयच्या समाजाचो हारसो म्हणलां. हाकाच लागून ह्या प्रबंधांत पुरायपणीं तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांचेर लक्ष घालून समाज जीवन अभ्यासपाची प्रेरणा मेळ्ळया.

### 1.4. अभ्यासाक घेतिल्ल्या तियात्रांची वळख

प्रस्तूत सोदवावर फकत ह्या पांच खंडाचेर केंद्रीत आसा. हेच 20 तियात्र अभ्यासाक घेतिल्ल्या कारणान, तांची संक्षेपान वळख करून दिवप गरजेचें थारता.

#### 1.4.1. कांटेच कांटे

*'कांटेच कांटे'* हो तियात्र एका शिक्षकाची कथा प्रदर्शीत करता. हो शिक्षक समाजांत जायतें बरें करूंक सोदता. हे बरे वागणुकेचेर धांपणें घालूंक कितलेशेच लोक कांटे घेवन उबे रावतात. आपूण बरें करूंक सोदिनात तें जालेंच, पूण दुसऱ्याकूय आडावपाक आपूण ताचे वाटेर कांटेच कांटे जातात. ह्या तियात्रांत हे वायट चालीचेर बडी मारल्या.

#### 1.4.2. उतरां आनी करण्यो

*'उतरां आनी करण्यो'* हो तियात्र दोन तरांच्या समाजसेवकांचें जिवीत चित्रायता. एकलो समाजसेवक फकत गोड गोड उतरांनी समाजसेवेची भास उलयता पूण करण्यो करपाक हातभर पयस रावता. जाल्यार दुसरो समाजसेवक उतरां बराबर करण्यो करूंक भोव फुडें आसता. समाजांत कांय मनीस रित्या आयदना भाशेन फकत आवाजूच करतात. ते करण्यो करपाक खूब फाटीं उरतात. असल्या सभावाच्या मनशांचेर लेखक एक सणसणीत थापट मारता.

### 1.4.3. हांवूच तो

*'हांवूच तो'* तियात्र दोग भावांची दुखेस्त कथा विणटा. एकलो सता आनी निती खातीर झुजपी पूण एक अपराधी जीण जगता. निश्ठूर मनीस खून करता आनी खुनाक लागून आनीक खुनी निर्माण जातात, हाचेंच जिवें चित्र ह्या तियात्रांत चितारलां.

### 1.4.4. इश्ट

*'इश्ट'* ह्या तियात्रांत दोगां इश्टांची कथा विणल्या. हे इश्ट एकामेकाचो मोग करतात तें दिसता. तेच बराबर ते दोगूय देशप्रेमी. हो तियात्र इश्टागतीचें नातें ऊंच उबारता हें जालेंच; तेच बराबर देशप्रेमी जावपाक प्रोत्साहन दिता.

### 1.4.5. इन्स्पॅक्टर

*'इन्स्पॅक्टर'* हो तियात्र एका दुश्ट इन्सपॅक्टराची काणी चित्रीत करता. फटयतल्यांक, खुन्यांक, नागवण्यांक... हेर दुश्ट मनशांक आपल्या पापांची ख्यास्त मेळुंकूच जाय अशें हो तियात्र स्पश्टपणान सांगता.

### 1.4.6. आयचो समाज

*'आयचो समाज'* हो तियात्र दोन गुन्यांवकारांच्या जिविताचेर केंद्रीत आसा. पयलो गुन्यांवकार गरीब जाल्ल्यान कांयच उपाय नासून बारीक बारीक अपराध करता. दुसरो गुन्यांवकार आपूण एका समाज सेवकाचें रुपडें घालून समाजांत सगळ्या तरांचें नश्टें कर्म करता. असल्या गुन्यांवकाराक हातभर पयस दवरपाचो लेखकाचो संदेश आसा.

### 1.4.7. काळोख आनी उजवाड

*'काळोख आनी उजवाड'* हो तियात्र क्रिस्तांव दोतोर आनी अक्रिस्ती नितिदार हांचें जिवीत माचयेर सादर करता. हे दोगूय धर्मभेदा आड प्रचार करपी पूण आपल्या जीवनांत तें तत्व पाळपाक खूब पयस उरतात. असल्या मनशांचेर हो तियात्र एक सणसणीत थापट मारता.

### 1.4.8. अंतस्कर्ण आनी कायदो

*'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* हो तियात्र दोन भाटकारांचें आनी दोन मुंडकारांचें जिवीत चित्रायता. मुंडकार कायदो अस्तित्वांत आयलो तेन्ना जायत्या मुंडकारांनी घरांदारांचे आशेक लागून आपल्या अंतस्कर्णाचेर शेण काडिल्लें नदरेंत भरलें. हो तियात्र हे असले सत्य परिस्थितीचेर उजवाड घालता.

### 1.4.9. भुरगीं आमची गिरेस्तकाय

*'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'* हो तियात्र एके समाज सेवा करतले अस्तुरेचेर केंद्रीत आसा. ही अस्तुरी समाजा मुखार येसस्वी जाता खरी पूण आपल्याच कुटुंबांत हारता. समाज सेवा करप ही बरी गजाल. पूण समाजसेवेच्या नांवान आपल्या कुटुंबाक निसंतानाक पावोवप ही चुकीची गजाल हाचो हो तियात्र उगडास करून दिता.

### 1.4.10. झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* हो तियात्र नुस्तें मारपी कुटुंबाची कथा सांगता. परंपरीक वेवसाय म्हणल्यार गोंयचें दायज आनी गिरेस्तकाय अशें ह्या तियात्रांत स्पश्ट केलां. भोव करून नुस्त्याच्या वेव्हारांत भांगर झगझगता अशें हो तियात्र सांगून दिता.

### 1.4.11. म्होंवाळ वीख

*'म्होंवाळ वीख'* हो तियात्र दर्यावेळेर आशिल्ल्या एका कुटुंबाची काणी सांगता. हें कुटुंब चार पयश्यांचे आशेक लागून जिविताचीं तत्वां-मुल्यां कोनशाक मारून बसता. घसघश्यांनी पयशे जोडले आनी जिविताचीं तत्वां-मुल्यां घाणाक दवरलीं जाल्यार मनशाक कसलो फायदो? ह्याच प्रस्नाक जाप सोदूंक लावपी हो एक प्रभावी तियात्र.

### 1.4.12. समाज सेवा

*'समाज सेवा'* हो तियात्र राजकारणी फुडाऱ्याचें जिवीत चित्रायता. राजकी मळार *'नॅपोटिझम'* आसा हाचें जिवाळ जिवें चित्र ह्या तियात्रांत आसा. हें *नॅपोटिझम* कशें सोंपोवचें हाचीय जाप दिता. समाज सेवा नितळ-निवळ मनान करपाक हो तियात्र उत्तेजन दिता.

### 1.4.13. आमी सगळे एक

*'आमी सगळे एक'* हो तियात्र दोन कुटुंबांची काणी विणटा. एक कुटुंब क्रिस्तांव जाल्यार दुसरें हिंदू. गोंयांत वेगळया वेगळया धर्मांचे मनीस आसात. तांचे मदें शांतीचें वारें घोळटा. हें वारें दुशीत करून सुवार्थी राजकरणी वावुरतात. असल्या मनशांचेर हो तियात्र एक सणसणीत थापट मारता. धर्माचो वेगळोचार आसूं पूण मनीसपणाच्या नात्यान जगूंक जाय असो संदेश मेळटा.

### 1.4.14. हॅलो आंकल

*'हॅलो आंकल'* हो तियात्र एका आवय बापूय नाशिल्ल्या कुटुंबाचेर आदारीत आसा. काम मेळना म्हणून बेकार रावप हें मान्य करपाक जाता. पूण काम सोदिनासतना बेकार रावप आनी बेकारपणाचें सूख भोगप हें मान्य करपाक खूब कठीण. जीं कोण बेकार

भोंवतात आनी बेकारपणाचें सूख भोगतात, असल्या मनशांचेर हो तियात्र खर टिका करता.

### 1.4.15. अर्थ

*'अर्थ'* हो तियात्र एके अस्तुरेची कथा चित्रायता. ही अस्तुरी खूब दयाळ करण्यो करता. हें सगळें करता तेन्ना फकत लोकांक दाखोवचे खातीर करता. तिच्या घरांत तिचो आरीन धरिल्लो घरकार आसता. त्या घरकाराक मात फावो तो वेळ दिवंक  ती फाटीं उरता. आपल्या घरकाराची सेवा करूंक तिचे हात जड जातात. ही अस्तुरी मरून देवाच्या निवाड्याक उबी रावता. जेन्ना देव तिका खऱ्या मागण्याचो अर्थ समजायता तेन्ना ती देवा म्हऱ्यांत हारता.

### 1.4.16. सांखळ्यो

*'सांखळ्यो'* हो तियात्र एका सुटके झुजाऱ्याचे कथेचेर आदारिल्लो आसा. हो सुटके झुजारी गोंय-प्रेमी. पुर्तुगेज जेन्ना गोंयांत आसले तेन्ना ते हुकूमशाय चलयताले. तांचेर जैत जोडून गोंय मुक्त जालें. गोंयांत भ्रश्टाचारा सयत जें नश्टें चल्लां तें सोंपलें जाल्यारूच गोंय नव्यान मुक्त जावपाक पावतलें होच संदेश ह्या तियात्रांत मेळटा.

### 1.4.17. दिता तशें घेता

*'दिता तशें घेता'* हो तियात्र एके निश्ठूर आवयची कथा सादर करता. ही आवय आपल्या घरकाराक आपले सत्ते खाला नाचयता. कांय कुटुंबांनी क्रूरपण आनी निश्ठूरपण सदांचोच वेव्हार जाला. असल्या प्रकरणांक लागून कुटुंबांतली शांती पोखरून वता. कुटुंबांनी खरेली शांती वसतली जाल्यार सोंसणिकाय खूब म्हत्वाची. हो तियात्र हीच दिका आपणावपाचो उलो मारता.

### 1.4.18. नोवी दिशा

*'नोवी दिशा'* हो तियात्र दोन राजकी फुडाऱ्यांचें जिवीत चित्रायता. अण्णा हजारे सारक्या म्हान नेत्यान राजकी मळार नवी दिशा मेळची म्हूण नवे प्रस्ताव मांडिल्ले, तांचेर आदारीत हो तियात्र आसा. पुराय राजकरण नितळ-निवळ जावचें होच हुसको हो तियात्र परगटयता.

### 1.4.19. गोवा.. गोईंग..गॉन?

*'गोवा.. गोईंग..गॉन?'* हो तियात्र एका गोंयच्या कुटुंबाचेर आदारीत आसा. ह्या कुटुंबांतलो बापूय गोंयची अस्मिताय, गोंयची संस्कृताय, गोंयची परंपरा आनी गोंयचें दायज सांबाळपाक जाय असो समज करून घेवन जियेता. ताची घरकान्न आनी दोगां भुरगीं आधुनीक तरेन जगपाक सोदतात. हो तियात्र गोंयची अस्मिताय, गोंयची संस्कृताय, गोंयची परंपरा आनी गोंयचें दायज सांबाळपाक जाय असो संदेश दिता.

### 1.4.20. एक्सिडण्ट

*'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांत दोन कुटुंबांची काणी आसा. हो तियात्र अपघात जाले उपरांत कसले परिणाम जातात हाचेर उजवाड घालता. भोव करून जोडकाराक अपघात जाता तेन्ना कुटुंबाचें निसंतान जाता हें स्पश्ट करता. तेच बराबर समाजान आनी सरकारान असल्या कुटुंबां खातीर अर्थीक पालव दिवंचो असो संदेश दिता.

## 1.5. प्रबंधाची गरज आनी उद्देश

- तियात्राच्या साहित्यीक मळार पीएच्. डी. खातीर आयज मेरेन पुरायपणीं एकाच तियात्रिस्ताचेर केंद्रीत आशिल्ल्लो अभ्यास जाल्लो ना.

- तोमाझिन्यु कार्दोज ह्या तियात्रिस्ताच्या तियात्रांतलें समाज जीवन चित्रीत करपी हो पयलो चिकित्सक अभ्यास.
- तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्लें समाज जीवन खरेंच गोंयच्या समाजाचें आसा व्हय?
- तांणी पडबिंबीत केल्लें समाज जीवन वास्तवीक आसा वा काल्पनीक आसा?
- तांणी प्रदर्शीत केल्लें समाज जीवन गोंयांत आशिल्ल्या सगळ्या समाजांक आसपावून घेता वा फकत एकाच समाजाचेर केंद्रीत आसा? अश्या कांय म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर उजवाड घालपाची मोख आसा.
- प्रस्तूत सोदवावरा वरवीं तियात्राचो अशीर आशिल्लो साहित्यीक मळो इल्लोसो तरी विस्तार घेवंक पावल्यार हो सोदवावर फळादीक जातलो अशी अपेक्षा बाळगितां.
- गोंयांत पदवी आनी पदव्युत्तर शिक्षणीक पांवड्यार तियात्र विशयाचेर तीन पेपर शिकयतात. विद्यार्थी तियात्र विशय शिकतना तांकां संदर्भा खातीर फावो तितली साधनसामुग्री मेळना. प्रस्तूत सोदवावरा वरवीं विद्यार्थांक लाव जातलो अशी अपेक्षा आसा.

## 1.6. आवांठ आनी मर्यादा

- 2021 वर्सा मेरेन तोमाझिन्यु कार्दोजान 40 तियात्रांचें लेखन करून ते माचयेर सादर केल्यात. प्रस्तूत सोदवावर सादरीकरण ध्यानांत घेनासतना फकत छापून आयिल्ल्या साहित्याचेर आदारिल्लो आसा.

- लेखकाली एक विशेशताय म्हणल्यार, *'तियात्र गोंयच्या समाजाचो आरसो'* ह्या माथाळया खाला तांणी पांच खंड उजवाडाक हाडल्यात. ह्या पांचूय खंडांनी (आदीं छापून आयिल्ल्या तियात्रांचो आसपाव आसा) सगळे मेळून 20 तियात्र रोमी लिपयेंतल्यान छापून आयल्यात.
- 2021 वर्सा मेरेन तियात्राच्यो संहिता छापून आयल्यात तातूंतल्या 95% पुस्तकांनी कांतारांचो आसपाव ना. कांतारां नासतना तियात्र छापप म्हणल्यार तियात्राचें खाशेलपणूच ना करप. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्याय पांचूय खंडांनी कांतारां मेळनात. हाका लागून तांच्या कांतारांचो अभ्यास ह्या सोदवावरांत आसपावूंक मेळूंक ना.

**1.7. सोदवावराची पद्दत:**

- प्रस्तूत सोदवावरा खातीर मुखेलपणान तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या वयर उल्लेख केल्ल्या पांच खंडांचो वापर करून चिकित्सक पद्दतीन समाज जीवनाचो अभ्यास केला.
- अभ्यासाक घेतिल्लीं पुस्तकां (20 तियात्र) रोमी लिपयेंतल्यान आशिल्ल्यान तातूंतल्या संदर्भांचो वापर जाला तेन्ना त्या संदर्भांचें हांवें देवनागरींत लिप्यंतर केलां. लिप्यांतर करतना रोमी लिपयेंतले उच्चार लक्षांत घेवन केलां. तशेंच हे संदर्भ पांच खंडांतले आशिल्ल्यान संदर्भ आंकडे दितना पयलीं खंडाचो आंक दिला आनी उपरांत पुस्तकाच्या पानाचो आंकडो दिला.
- संबंदीत पुस्तकां, नेमाळीं, प्रपत्रां, वॅबसायटी, मुलाखती, चर्चा बी साधनसामुग्रीचो उपयोग केला. चडशी साधनसामुग्री अन्य भासांतली आशिल्ल्यान गरज थंय संदर्भ हांवें अणकारल्यात. प्रस्तूत सोदवावरांतले संदर्भ

शास्त्रीय पद्तीन दिवपाच्या हेतान *'MLA, Handbook for Writers of Research Papers'* ह्या पुस्तकाचे आठवे आवृत्तेचो आदार घेतला.

**1.8. प्रबंधाची मांडावळ:**

- पयल्या प्रकरणांत विशयाची वळख घडयल्या.
- दुसऱ्या प्रकरणांत तोमाझिन्यु कार्दोज हांची वळख घडयतना ते कसल्या दर्ज्याचे तियात्रिस्त  हाचें विश्लेशण केलां.
- तिसऱ्या प्रकरणांत  समाज जीवन म्हणल्यार कितें तें सांगून समाज जीवनाच्या वेगवेगळया घटकांचेर उजवाड घाला. खास करून गोंयच्या समाज जीवनाचीं खाशेलपणां नदरेक हाडल्यांत. समाजकारण, राजकारण, धर्मकारण, अर्थकारण आनी संस्कृताय अशे तरेचे घटक अभ्यासल्यात.
- चवथ्या प्रकरणांत समाजकारण ह्या घटकाचेर आदारीत तियात्रांनी आसपाविल्ली समाजीक बाजू चित्रीत करून तिचें विश्लेशण केलां.
- पांचव्या प्रकरणांत लेखकान राजकारण हो विशय हाताळ्ळा तें ध्यानांत घेवन ताचेर भाश्य केलां.
- सव्या प्रकरणांत लेखकान धर्माचें जें चित्रण केलां तें नियाळून ताचेर उजवाड घालपाचो प्रयत्न केला.
- सातव्या प्रकरणांत अर्थकारण ह्या घटकाचेर आदारीत तियात्रांनी जी अर्थीक परिस्थिती लेखकान उजवाडाक हाडल्या तिची चिकित्सा केल्या.
- आठव्या प्रकरणांत तोमाझिन्यु कार्दोजान जी संस्कृती पडबिंबीत केल्या तिची विस्कावणी केल्या.
- णवव्या प्रकरणांत सोदवावराचेर आदारीत निश्कर्श मांडल्यात.

**प्रकरण 2**

# तोमाझिन्यु कार्दोज हांचें जीवन आनी कर्तृत्व

## 2.1 प्रस्तावना

साहित्याचे निर्मितीक साहित्यकाराचें योगदान म्हत्वाचें आसता. साहित्यकार हो समाज जीवनाचोच एक भाग आनी तो समाजांत जें कितें पळयता, अणभव घेता ताका कलात्मक रुपान आपल्या साहित्यांत व्यक्त करता. केन्ना तो समाजांतलें जीवन पळोवन ताच्या त्रुटींची उपेक्षा करता, तर केन्ना त्याच त्रुटींचेर टिका आलोचना करून सुदारपाचो मार्ग दाखयता. जरी साहित्यकार हो समाज-सुदारक नासलो तरी समाजाचोच एक भाग आशिल्ल्या कारणान समाजांत ज्यो त्रुटी आसात तांचे कडेन समाजाचें लक्ष केंद्रीत करप हें तो आपलें कर्तव्य समजता. साहित्याचो अभ्यास, मनन आनी चिंतन करून मनीस सभ्य आनी बरे वागणुकेचो प्रसार करता. समाजाच्या विकासा खातीर हे गूण आसप गरजेचें. साहित्यकार समाज जीवनाची प्रेरणा घेवन तातूंत आपलेय कल्पनेचे रंग भरून आपले कृतीचें सृजन करता. जेन्ना रचनाकार आपल्या युगांतली समाजीक परिस्थिती पळोवन निराश जाता तेन्ना आपल्या भूतकाळांतले खंयचेय घटनेक आपली कल्पना जोडून भविश्याचें सुंदर चित्र तो उबें करता. साहित्यकार जन जीवनांतल्यान जें कितें प्राप्त करता तें मनोविकाराच्या माध्यमांतल्यान स्थायी भावान बदलता आपले प्रतिभेच्या बळाचेर तें तो परत समाजाक प्रदान करता.

खंयच्याय साहित्यकाराचें कर्तृत्व ताचें व्यक्तिगत जीवन आनी अणभव हांचे कडल्यान कुशीक काडूंक जायना. लेखकाचे विचार, ताच्यो भावना आनी संवेदना ताचे जिणेचें पडबिंब. साहित्यकाराचें पुराय जिवीत ताच्या कलाकृतींनी शिंपडून आसता. ताका

लागून खंयच्याय साहित्याचें विश्लेशण करचे पयलीं साहित्यकाराक जाणून घेवप खूब म्हत्वाचें. हेंच मनांत बाळगून तोमाझिन्यु कार्दोज हांचें जीवन आनी कर्तृत्व हांचेर लक्ष केंद्रीत केलां.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांचें जीवन आनी कर्तृत्व हांची वळख घडयतना पयले सुवातेर तांच्या आवय आनी बापाय विशीं  जाणून घेतलां. ते उपरांत तांचो जल्म, भुरगेंपण, शिक्षण आनी घरसंवसार हांचेर उजवाड घाला. शिक्षक, लेखक, कवी, निबंदकार, कथाकार, एकांकीकार, सरपंच, राजकारणी, भाशा भक्त, खेळगडी, पत्रकार, मांडो मोगी, तियात्रिस्त, अशीं तांचीं अनेक रुपां दाखयल्यांत. हें सगळें करतना मुखेलपणान तोमाझिन्यु कार्दोज तियात्रिस्त म्हुणन उजवाडाक हाडलां. सायपें स्पोर्ट्स क्लब, कांदोळेचीं किर्णां, कला मोगी कांदोळीं, ऑल गोवा पंचायत परिशद, इंडियन स्टुडण्ट एड फावण्डेशन, दाल्गादो कोंकणी अकादमी, गोंय तियात्र अकादमी ह्या वेगवेगळया संस्थांनी तांणी केल्ल्या वावराची दखल घेतल्या. तांचे जे विचार निबंदांत पडबिंबीत जाल्यात तांचेर लक्ष घालां. शेवटाक तोमाझिन्यु कार्दोज हांचो भोवमान आनी पुरस्कार हांचो नियाळ केला.

## 2.2  कुटुंबाची वळख

दर एक मनीस कुटुंबांत जल्माक येता. कुटुंब ताका संस्कार दिता.  कुटुंबांत ताची घडण जाता. ताची वागणूक, ताचें उलोवप, ताचें चिंतप आदी गजाली कुटुंबा कडल्यान प्रभावीत जातात. तोमाझिन्यु कार्दोज हे  कार्दोज कुटुंबाचे वांगडी. ह्याच कारणा खातीर तांची वळख करून घेवचे पयलीं तांच्या कुटुंबाची वळख करून घेवप  गरजेचें.

### 2.2.1 बापाय विशीं

तोमाझिन्यु कार्दोजाच्या बापायचें नांव आसेसांव कार्दोज. ताका आसीस म्हणून पाचारताले. ताचो जल्म 2 जानेवारी, 1906 एकोशी पोंबुर्पे ह्या गांवांत जालो. ताका तीन भाव आनी तीन भयणी. तीं सगळीं मेळून सात जाणां.

ताचें घराणें शेतकाम करतालें. ते भायर नुस्तें मारपाचेंय काम करतालें. आसीस कार्दोज शेतांतलें तशेंच नुस्तें मारपाचें काम जाणा जाल्ल्यान घरच्यांक ह्या कामांत मदत करतालो. घरांत सगळयांत धाकलो पूत जाल्ल्यान, ताका घरच्यांनी इगर्जेंत शिकपाक घाल्लो. तो वाचूंक आनी बरोवंक जाणा आशिल्लो तशेंच ताका रेबेक वाजोवपाक येतालें. गांवांत ज्यो लादाइनी जाताल्यो त्यो तो वाजयतालो.

### 2.2.2 आवय विशीं

तोमाझिन्यु हाचे आवयचें नांव सिमोनिया रिटा माशादु. ती ज्योकी लुईस माशादु आनी मारिया आगुस्ता हांची धूव. तिचो जल्म 27 ऑक्टोबर 1919 दिसा जालो. तिका अपुरबायेन आनिन्हा म्हणटालीं. तांचे आवयचो जल्म गांव कांदोळी. तिका दोन भयणी (फेलिसिदाद आनी साबिना) आनी एक भाव (कारासिवालो). तीं सगळीं मेळून चार भावंडां.

तिका चीट बरोवपाक आनी वाचपाक येताली. त्या काळार चलयेक चीट बरोवपाक आनी वाचपाक येवप म्हणल्यार मानाची गजाल आशिल्ली. शेजारच्यो बायलो तिचे कडेन चिटी बरोवपाक येताल्यो. तांचे घोव तारवार आसताले, कोणाचे मोझांबीके जाल्यार कोणाचे मुंबय. तांच्यो चिटी ती बरयताली. तिचो बापूय मोझांबीक आसतालो. तिचो भाव, म्हणल्यारूच तोमाझिन्यु कार्दोजाचो मामा, लेगीत मोझांबीक आसतालो.

### 2.2.3 तांचें काजारी जिवीत

आसीस कार्दोज आनी सिमोनिया रिटा माशादु हांचें 23 नोव्हेंबर,1937 ह्या दिसा लग्न जालें. तांकां चार भुरगीं जालीं. तीन पूत आनी एक धूव. तेगां भावंडां उपरांत तोमाझिन्यु जल्माक आयलो. पयलो ताचो व्हडलो भाव जुवांव दे देवूश (1939), मागीर लावरा (1941) नांवाची भयण जें सात वर्सांचे पिरायेरूच देवाआधीन जालें. उपरांत तोमाझिन्यु (1943). तोमाझिन्यु हो ताचो भाव जल्म घेतले उपरांत अंतरलो. ह्याच भावाचें नांव तोमाझिन्यु कार्दोज हांकां दवरलें.

तोमाझिन्यु फकत एका म्हयन्याचो आशिल्लो तेन्ना आसीस कार्दोज दुयेंत पडलो. गोंयांत बऱ्यो सवलती नाशिल्ल्या कारणान उपचाराक लागून ताका मुंबय व्हरचो पडलो. व्हरता आसतना कळाव जाल्ल्या कारणान मुंबयंतूच ताका 14 मे 1946 ह्या दिसा काळजाचे पिडेन मरण आयलें.

तोमाझिन्यु कार्दोजाच्या बापायच्या मरणा उपरांत तांकां तांच्या बापायच्या कुटुंबान कसलोच आदार दिवंक ना. तोमाझिन्यु कार्दोजाच्या बापायक लागून जी येणावळ येताली ती लेगीत मरणा उपरांत येवपाची बंद जाली. येणावळ बंद जाल्ल्या कारणान तोमाझिन्यु कार्दोजाचे आवयक कामाक वचून घर चलोवंचें पडलें. तोमाझिन्यु कार्दोजाचो मामा मोझांबीक आसतालो. ताणें आपले भयणीक "तें काम सोड आनी कांदोळे वचून राबितो कर" अशें सुचयलें. सुचोवणेक हयकार दिवन तीं कांदोळे रावपाक गेलीं. त्या वेळार तोमाझिन्यु कार्दोज फकत चार म्हयन्यांचे आशिल्ले. (Cardozo, Mhozo Bhav Joao de Deus Cardozo 1-8)

## 2.3 जल्म आनी भुरगेंपण

तोमाझिन्यु कार्दोज हांचो जल्म 14 एप्रील 1946 दिसा जालो. तांचें पुराय नांव लाम्बेर्तु तोमास कार्दोझु. तांकां तोमाझिन्यु कार्दोज ह्याच नांवान वळखतात.

ल्हान आसतनाच तोमाझिन्यु कार्दोज एक उमेदीचो भुरगो आसलो. तांकां शिकपाक आवडटालें, बरें खेळपाक जमतालें, सुटसुटीत उलोवपाक येतालें, प्रभावीपणान बरोवपाक जमतालें. प्रभावीपणान बरोवपाक जमतालें म्हणटा तेन्ना तांचे एके घडणेचो उल्लेख करप योग्य दिसता. ते स वर्सांचे आसतना, एक सर्त आशिल्ली. 8 डिसेंबराक पणजे कोंसेसांव सायबिणीचें फेस्त जाता. पुर्तुगेजाच्या काळार *'दीया दु मांय'* म्हणल्यार आवयांचो दीस मनयताले आनी सगळ्या शाळांनी पत्र धाडटाले. दर एक भुरग्यान आपले आवयक चीट बरोवप. ते ह्या वेळार 7 वर्सांचे आशिल्ले. तांची शिक्षिका मारिया द आफोन्स हांणी तांकां चीट बरोवपाक उर्बा दिली. तांणी ती चीट कोंकणींत रोमी लिपयेंतल्यान बरयली. ही सर्त तेन्नाच्या पुर्तुगेज सरकारान घडोवन हाडिल्ली. गोंयभरच्या भुरग्यांनी तातूंत वांटो घेतिल्लो. मन लावन तांणी चीट बरयली. चीट बरयले उपरांत तांकां ती चीट पुर्तुगेज भाशेन आसपाक जाय अशें समजलें. निमाण्या वेळार फा. मार्कूज मिनेझीश हांचो आदार घेवन ती चीट पुर्तुगेज भाशेंत अणकार करून धाडून दिली. तांचे हे चिटीक अखील गोंय पांवडयार पयलें इनाम फावो जालें. ह्या इनामाचो उगडास करतना ते म्हणटात, "म्हाका अखील गोंय पांवडयार पयलें इनाम फावलें तें म्हजे भाशेक न्हय पूण म्हज्या चिंतपाक" (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 9 जानेवारी, 2018).

तोमाझिन्यु कार्दोजाची धाकली मावशी साबिना तांचेच वांगडा रावताली. तोमाझिन्यु कार्दोजाचे आवयचो बापूय मोझांबीक दुयेंत पडलो तसोच मामा लेगीत दुयेंत पडलो. दुयेंत जाल्ल्या कारणान ते जें थंयसून कितें धाडटाले तें येवपाचें बंद जालें. येणावळ

येनाशिल्ल्या कारणान आवयक आनी मावशेक नुस्तें लेगीत विकपाक वच्चें पडलें. हेरां कडल्यान नुस्तें विकतें घेतालीं आनी विकतालीं. अशें करून तांणी भुरग्यांक ल्हानाचीं व्हड केलीं.

घरचे अर्थीक परिस्थितीक लागून तोमाझिन्यु कार्दोजाच्या व्हडल्या भावाक आठ वर्सांचो आसतनाच मुंबय कामाक धाडलो. ताका म्हयन्याक पांच रुपया पगार आशिल्लो. तो बेकरींत पत्रें पुसपाचें काम करतालो. कांय तेंपान आवय लेगीत कामा खातीर मुंबय गेली.

तोमाझिन्यु कार्दोज आनी तांची मावशी गोंयांतूच उरलीं. मावशी नुस्तें विकून पोट भरताली. आवय आनी व्हडलो भाव मुंबय दुयेंत पडलीं. तांकां टायफॉयड जालो. त्या दोन वर्सां मदीं मावशेक खूब त्रास सोंसचे पडले. सकाळ-सांज नुस्तें विकपाक वताली. इतलें करून लेगीत फकत आठ आणेच हातार उरताले आनी ह्या आठ आण्यांनी पुराय दीस सारूंक जाय आसलो. मावशेन खूब त्रास काडून तांकां वाडयलीं. आवयक शिवण येताली. ती लोकांचे कपडे शिंवताली आनी भुरग्यांक शिवण शिकयताली. अशें करून म्हयन्याक ती चार आणे जोडटाली.

गांवांत फेस्तां-परबो जाताल्यो तेन्ना तांच्या घरांत शीत कडी लेगीत नासताली असली तांची परिस्थिती आशिल्ली. तोमाझिन्यु कार्दोजाचे आवयन, मावशेन आनी मामान खूब त्रास काडले. तोमाझिन्यु कार्दोजाच्या भावाक शिक्षण सोडचें पडलें पूण ताणें तोमाझिन्यु कार्दोजाक मुखार शिकपाक लायलें.

बेतीं जागो घेवन तोमाझिन्यु कार्दोजाचो व्हडलो भाव बेकरी चलयतालो. थंय तो बिस्किटी करतालो. सकाळीं फुडें बिस्किटी करप आशिल्लें आनी सांजेचें पसऱ्यांचेर घालप. पंचवीस रुपयांचो म्हाल हाडटालो. बिस्किटी विकून ताका पन्नास रुपया

मेळटाले. दिसाक पंचवीस रुपया जोडटालो (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 9 जानेवारी, 2018).

## 2.4 शिक्षण

तोमाजिन्यु कार्दोजान आपलें मुळावें शिकप कोंकणींतल्यान केलें. त्या काळार कोंकणी शिकपाची वेगळीच तरा आशिल्ली. तांचे आवय लागीं तांकां शाळेक घालपाक घडनासलें. ते सुमार धा-इकरा वर्सांचे आसतना तांचे आवयन तांकां रोमी लिपयेंतल्यान चीट बरोवपाक कायतान पैरैर हाचे लागीं धाडलो मागीर तातूंतल्यान कोंकणी वाचप, बरोवप  आनी शिकप जातालें. दोन वर्सां तांणी थंय काडलीं. ते उपरांत इर्गेच्या इशकोलांत तांणी तीन वर्सां शिकपाक घालयलीं. कांय खेळ जशे गड्यांनी, कोयंडे बालांनी, बियांनी, आदी खेळून पांच रुपया मेळटाले ते तांकां पुस्तकां, पेनसील हाडपाक उपकारताले. ते शिकपांत आनी खेळपांत हुशार आसले. ह्या शिकपा उपरांत 1960 वर्सा तांणी पुर्तुगेज भाशेंतल्यान सेगुंद ग्राव पास जावंक शाळेक गेले. 1971 वर्सा तांणी बी. एस. सी. चें शिकप धेंपे कॉलेजिंतल्यान पूर्ण केलें (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 27 फेब्रुवारी, 2018).

## 2.5 घरसंवसार

‘संवसारांत दर एका येसस्वी दादल्या फाटल्यान एके बायलेचो हात आसता’, अशी म्हण आसा. हे म्हणीक सत्य सिध्द करपी बेस बरी देख म्हणल्यार तोमाझिन्यु आनी आयरीन हें जोडपें. आयज मेरेन जें येस तोमाझिन्यु जोडून घेवपाक सक्षम जाला ताचें समान स्रय ते आपल्या अर्दांगिनीक म्हणल्यार आयरीन कार्दोज हिका अर्पीत करतात.

काजारा पयलीं आयरीनाची आयरीन पियेदाद रुझारियु ह्या नांवान वळख आसली, पूण काजारा उपरांत  तिणें ‘कार्दोज’ आडनांव घेतलें. 18 ऑक्टोबर 1951 ह्या दिसा तिचो

जल्म मुंबय शारांत जालो. जोजफ अँथनी रुझारियु आनी जोजेफा मार्गारिदा रुझारियु ह्या मध्यम वर्गीय जोडप्याच्या आसऱ्यांत ह्या व्यक्तीमत्वान आपलें पावल दवरलें. आवय, बापूय, व्हडली भयण कॅटला, धाकलो भाव सेसील अशें तिचें हें ल्हानशें कुटुंब जांच्या सांगातान तिणें आपलें भुरगेंपण अणभवलें.

आयरीन हिणें मुळावें ते एस. एस. सी. मेरेनचें शक्षण मुंबय शारांतच आत्मसात केलें. पूण उपरांत गोंयांत आपल्या मूळ गांवांत म्हणल्यार रायबंदरच्या पाट्यार स्थलांतरीत जातकच तिणें आपलें फुडलें शिक्षण गोंयांतूच घेतलें. बी.ए. ची पदवी मेळोवपाच्या हावेसान तिणें गोंयच्या धेंपे महाविद्यालयांत दाखलो घेतलो. पूण आपले शिक्षिका जावपाचे आवडीक लागून तशेंच महाविद्यालयांत स्वताचो मोबदलो भरून आपल्या बापायक अर्थीक नदरेन पालव दिवपाच्या हेतून तिणें पयलें वर्स करून शिक्षिकेचें प्रशिक्षण घेवपाचो निर्णय घेतलो.

ह्याच निर्णयाचेर चलतना आयरीन हिणें ‘डिप्लोमा इन एज्युकेशन’ हो एका वर्साचो अभ्यासक्रम केलो आनी बेगिनूच तिका आझुदा कोंवेतांत प्राथमीक पांवड्यार शिक्षिका म्हणून नोकरी प्राप्त जाली. अशे तरेन सकाळच्या वेळार विद्यार्थ्यांक शिकोवपा वांगडाच, रातच्या वेळार ती स्वता विद्यार्थी जावन महाविद्यालयांत आपली बी.ए. ची पदवी पुर्णत्वा कडेन व्हरपाक धडपडपाक लागली. स्वताच्या समर्पणान तशेंच आपल्या दृढ विस्वासान 1972 वर्सा ही पदवी मेळोवपांत ती येसस्वी जाली.

आयरीन हिणें पयलेच फावट तियात्राचे माचयेर पावल दवरलें तें 1968 वर्सा. वाड्यार कपेलाच्या फेस्ता निमतान तियात्र सादर करप जातालो आनी ह्या तियात्रांत ती उमेदीन वांटो घेताली. हे पयलीं तियात्र माचयेर खंयचेच थळावे चलयेन पांय दवरूंक नासलो. त्या काळार तियात्राक लागपी स्त्री पात्रां हेर गांवांतल्यान हाडप जातालीं. अशे तरेन

आपल्या कुटुंबाच्या प्रोत्साहनान आयरीन ही तियात्र माचयेर अभिनय करपी तशेंच कांतारां गावपी पयली वयली स्त्री कलाकार थारली. इतलेंच न्हय तर उपरांत ग्रामोफोन रॅकॉर्डिंगाचेर तियात्रांतलीं कांतारां, भक्तीगितां, मांडे आनी हेर लोकगितां गावपीय म्हणून ती प्रथम स्त्री जाली. आपले भितरले हेच कलेक लागून तिणें गोंयभर नामना जोडली.

शिक्षिका म्हणून वावुरतना कला अकादमीच्या उपाध्यक्षा कडल्यान, तियात्र उत्सवाच्या परिक्षक मंडळांत वावुरपाची संद तिच्या पदरांत पडली. पूण तियात्राचो परिक्षक जावपा खातीर फावो तें उपचारीक प्रशिक्षण नाशिल्ल्यान तशेंच तियात्रा कडेन फावो तें प्रकटन (exposure) नाशिल्ल्यान तिका स्वताचे प्रतिभेचेर दुबाव आयलो. मात आपल्या बापायच्या मार्गदर्शनाचो पालव घेवन तिणें हे संदीक एक आव्हान कशें स्विकारून तिचो फुडो करपाक हयकार दिलो. अशे तरेन पुंडलीक नायका सारक्या फामाद लेखकाचो आसपाव आशिल्ल्या परिक्षक मंडळांत तिचोय आसपाव जालो. ह्याच परिक्षणा वेळार तोमाझिन्यु हांची नामना तिच्या कानार पडली. आनी तोमाझिन्यु हांणी सादर केल्ल्या तियात्राचो दर्जो पळोवन तशेंच त्या उत्सवांत तांणी मेळयिल्लें पयलें इनाम पळोवन आयरीनाक तांचे प्रतिभेचो खरो दिश्टावो जालो.

थोड्याच दिसांनी शेजान्नी कडल्यान तोमाझिन्यु हांची सोयरीक तिच्या कानार पडली आनी दोगांयनी एका मतान हे सोयरीगतीक हयकार दिलो. अशे तरेन 28 जानेवारी 1979 दिसा तांचें काजार जावन फकत दोन मनांच एक जावंक नात तर दोन स्वतंत्र तांकीचे कलाकार एक जावन ही तांक द्विगुणीत जावंक पावली.

काजार  जावन दोगांयनी आपली शिक्षणाची आवड चालूच दवरून सांगातान एम्. ए. तशीच बी. एड्. पदवी मेळयली. लग्ना उपरांत लेगीत तोमाझिन्यु हांणी बरयिल्ल्या आनी दिग्दर्शन केल्ल्या साबार तियात्रांनी वांटो घेवपा वांगडाच मांड्यांनीय वांटो घेवन

तिणी माचयेची सोब वाडयली. 1982–1994 अशीं 12 वर्सां आयरीन हिणें सेंट तेरेझा विद्यालयांत माध्यमीक पांवड्यार जाल्यार 1995-2001 अशीं 6 वर्सां उच्च माध्यमीक पांवड्यार शिक्षकाची भुमिका पूर्ण समर्पणाचे भावनेन तडीक व्हेली. इतलेंच न्हय कामा कडेन आशिल्ल्या तिच्या कश्टाळू स्वभावाक लागून हरमल विद्यालयाची मुख्याध्यापिका म्हणून सेवानिवृत्त  जाली. ह्या हुद्द्यार 5 वर्सां वावुरपाची संद तिका मेळ्ळी आनी उपरांत तिची बदली हणजूण्यां जावन 2011 वर्सा ती शिक्षिका म्हणून निवृत्त जाली.

आयरीन कार्दोज  हिच्या मता प्रमाण तिची कुशळटाय अदीक फुलोवन मुखार हाडपाक तिच्या घरकाराचो व्हड हात आसा.

तोमाझिन्यु कार्दोज ही अशी व्यक्ती जी खंयचोय विचार चालीक लावंचे पयलीं हेरांचींय मतां जाणून घेवपाची तकालस घेतात. आपले येवजणे परस दुसऱ्यांची येवजण चड बरी आसली जाल्यार ती येवजण चालीक लावपाक ते फाटीं रावनात. हाचे वयल्यान आपल्या मता सारकेंच दुसऱ्यांच्या मताकूय तितलेंच म्हत्व दिवपी तांची वृत्ती उकती जाता. ते भायर, जर तोमाझिन्यु हांकां कसलीय येवजण मानवली ना जाल्यार ते फकत तिचेर न्हयकार दिनात जाल्यार त्या न्हयकारा फाटलीं कारणांय स्पश्ट करून दितात. हाकाच लागून पंगडांत काम करतल्या वांगड्यांक खंयच्याय कार्यांत तांचो आसपाव आशिल्ल्याची जाणविकाय जाता. देखीक, तियात्राचो विशय वेंचून काडपाक पंगडांतल्या वांगड्यां कडेन विचार-विनिमय तोमाझिन्यु करता अशें आयरीन कार्दोज आपल्या घरकारा विशीं सांगता.

तेच तरेन कसलीय येवजण चालीक लावचे पयलीं ताचेर उलोवप जाता आनी उपरांत सर्वसंमत निर्णय घेवप जाता. देखून दर एका वांगड्या भितर जबाबदारेची भावना

रुजवणाक येता जे वरवीं आपल्याय उतराक मोल आशिल्ल्याची जाण तांकां जाता. हाचे बराबरूच तोमाझिन्यु कार्दोज हांचे भितर सुक्षीम निरिक्षण करपाची तांक आसा जी तांच्या मनांतल्या विचारांक अदीक प्रभावी करता. हे सारकिले तोमाझिन्यु कार्दोज हांचे गूण तोखणायेक पात्र आसात अशें मत तांची घरकान्न व्यक्त करता. तशेंच तांचेच कडल्यान ती प्रोत्साहीत जावन लिखाण करपाक मुखार सरली देखून हाचेंय स्रय ती आपल्या घरकाराक दिता.

तोमाझिन्यु कार्दोज लेगीत आपले घरकान्नीच्या सांगाताक तितलेच कृतज्ञ भावनेन तोखेतात. तांच्या मता प्रमाण दोगांय एकाच वेवसायांत आशिल्ल्यान तशेंच दोगांकूय अभिनया सारके कलेची आवड आशिल्ल्यान तांच्या काजारी जिवितांत थिराय आयल्या जे वरवीं तांच्या कुटुंबीक जिवितांत तेच तरेन वेवसायीक क्षेत्रांत विचारां मदलीं घर्शण सोंपेपणीं दिसना. ते भायर, आपणाल्या जिवितांत भुरगें नाशिल्ल्याचेय गजालीक हें जोडपें सकारात्मक नदरेन पळयता. तांणी  संवसारीक जिवितांत अशींय कुटुंबां पळयल्यात जंय भुरग्यांचे वागणुकेक लागून घराची नाशाडी जाता. मात हो वेळ आपली कळाशी अदीक वाडीर हाडपाक आनी फावो तें उद्दिश्ट साधपाक, विचार-चिंतन करपाची स्वतंत्र मनोवृत्ती तयार जावपाक मेळ्ळी म्हणून तांकां खोस भोगता. आयरीन  जितलो सहभाग आनी आदार आपल्या घरकाराक दिता तितल्याच मापान तो तिका गरजे वेळार परतो मेळटा अशी धादोसकाय ती प्रगट करता. आनी  समजिकायेक लागून तांचें जिवीत तृप्त आनी संतुश्ट आशिल्ल्याचो आनंद तांच्या सुखी संवसारांतल्यान दिसता. (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 02 सेप्टंबर, 2018)

### 2.6 तोमाझिन्यु कार्दोज हांचीं अनेक रुपां

तोमाझिन्यु कार्दोज ही एक भोवरुपी व्यक्ती. तांची वेगळया वेगळया नांवांनी वळख आसा आनी हीं नांवां मेळोवपाक तांणी खाशेलें योगदान दिल्लें आसा. ह्या भागांत तांच्या ह्या अनेक रुपांची वळख घडयल्या.

#### 2.6.1 शिक्षक

तोमाझिन्यु कार्दोज, आपल्या वांगड्यां बराबर तियात्र माचयेर हाडून, गांवांत शाळांची स्थापना करपाक दुडू एकठांय करताले. तशेंच ते आपल्या गांवचे इगर्जेंत सगल्या कामांक हातभार लायताले. ह्या सारक्या कामां कडेन तांचें हें समर्पण पळोवन जेन्ना फा. आल्वीतान 'सेंट तेरेझा स्कूल' स्थापन केलें तेन्ना विद्यालयाचे मुख्याध्यापिके कडेन उतर घालून तांणी तोमाझिन्यु कार्दोजाक शिक्षक ह्या नात्यान विद्यालयांत नोकरी धरपाक सांगलें.

ह्या वेळार तोमाझिन्यु कार्दोजान बी. एस्. सी. मेरेनचें शिक्षण आत्मसात केल्लें. ते थंय शिकोवपाक लागले. मात 5 वर्सां भितर तांणी बी. एड्. मेरेनचें शिक्षण मेळोवचें अशी अट विद्यालय मंडळान तांकां घाली. पूण तोमाझिन्यु कार्दोजान 5 वर्सां जावचे पयलींच आत्मविस्वासान 'निर्मला इन्स्टिट ऑफ एज्युकेशन' हे संस्थेंतल्यान गणीत आनी विज्ञान विशयांनी बी. एड्. पूर्ण केलें.

1971 वर्सा गणीत आनी विज्ञान विशय शिकोवपी शिक्षक म्हणून विद्यालयांत ते वावुरपाक लागले. तांकां अध्यापन करतना पाठ शिकोवपाक आनी हेर कार्यावळी करपाक भोव आवडटालें. 1986 वर्सा ह्याच विद्यालयाचे पर्यवेक्षक आनी उपरांत सहाय्यक मुख्याध्यापक म्हणून तांची नेमणूक जाली. खरेपणीं हे हुद्दे ज्येश्ठ व्यक्तींक दिवप जातालें, मात तांचेकूय ज्येश्ठ अध्यापकांनी आक्षेप ना म्हणपाचो दाखलो दिवन

तांकां ह्या पदार बसयले. ही जबाबदारी हाताळीत ते विद्यालयाच्या फुडल्या बांदकामांत प्रत्यक्षपणान सामील जाले. 1977 वर्सा कांदोळेचे सरपंच जाले ह्या निमतान तांकां विद्यालयाच्या बांदकामा खातीर जायतो निधी मेळपाक लागलो.

तोमाझिन्यु कार्दोज  अशी व्यक्ती जी शिक्षणाक बडटी दिवपी वा शिक्षणीक संस्थांक संख्यात्मक रुपान वाडीर हाडपाक धडपड करपी. म्हणुनूच 1986 च्या काळांत तांणी उच्च माध्यमीक विद्यालय उबारपा खातीर वावर सुरू केलो आनी तांणी तें उबारलें लेगीत. तेच तरेन जेन्ना ते सेंट तेरेझा शाळेचे मुख्याध्यापक जाले तेन्ना अचकीत तांची बदली मयडेंच्या  सेंट झेवियर्स माध्यमीक विद्यालयांत जावन तांकां  मयडेंची वाट धरची पडली. अशे तरेन 1971 ते 1986 ह्या पंदरा वर्सांच्या काळांत तांणी सेंट तेरेझा विद्यालयाक सेवा ओंपली.

मयड्यां शिकयतनाच तांणी 1987-88 ह्या वर्सांनी राज्यशास्त्र आनी समाजशास्त्र ह्या विशयांनी एम्. ए. पदवी मेळयली. ते आपल्यो वेग-वेगळयो भुमिका एकामेकांत भरसून उडयनासले पूण कर्तव्यनिश्ठ जबाबदार व्यक्ती वरी आपलें काम पुर्णताये कडेन पावयताले. अशें आशिल्ल्यान सकाळीं शिक्षकाची भुमिका हाताळून सांजे पंचायतींत सरपंच ह्या नात्यान ते वावुरताले.

मयड्यां रुजू जावन भुरग्यांचो निकाल 50% च्या सकयल येता तें पळोवन, स्वताच्या शिक्षण पद्दतींनी प्रभावीपण हाडून, 1993 वर्सा, 100% प्रतिश्यां मेरेन वाडोवपांत ते येसस्वी जाले.  खंयचेय ग्रामीण शाळेन 100% निकाल जोडप ही एक तोखणायेची गजाल आशिल्ली कारण त्या काळार शाळांनी अंतर्गत मुल्यांकन (internal assessment) नासलें.

तोमाझिन्यु कार्दोजाक, ह्या वेळार एके गजालीचें भोव वायट दिसलें तें म्हणल्यार, लोक ग्रामीण शाळेंत आपल्या भुरग्यांक भरती करपाक फाटीं-फुडें जाताले, कारण ग्रामीण शाळा उण्या दर्ज्याच्यो आसतात अशी विचारसरणी आशिल्ली.

तोमाझिन्यु कार्दोजान शिक्षण दिवपाच्या तेच तरेन शिक्षण आत्मसात करपाच्या पद्दतींनीं प्रभावीपण हाडून शिक्षकांचें आनी मुखेलपणान विद्यार्थ्यांचेंय मार्गदर्शन केलें. तांणी प्रदर्शन कार्यक्रम, वक्तृत्व सर्ती, वादविवाद सर्ती बी हांचें आयोजन करून तशेंच वर्सुके अंक काडपा असल्यो नव्यो येवजण्यो चालीक लावन प्रभावीपण सिध्द केलें. हेंच न्हय तर तांच्या विद्यालयाची परिणामकारक उन्नती पळोवन योग्य मार्गदर्शन मेळोवन घेवपाक हेर मुख्याध्यापकां कडल्यान तांकां आपोवणीं येवपाक लागलीं. मयडेंच्या सेंट झेवियर्स माध्यमीक विद्यालयांत तांणी स वर्सां अध्यापन केलें आनी हीं वर्सां ते आपल्या अध्यापन जिवितांतलीं उत्कृश्ट वर्सां अशें मानतात.

उपरांत 1994 वर्सा जून म्हयन्यांत पोंबुर्पेंच्या सेंट एलिझाबेथ माध्यमीक विद्यालयांत तांची मुख्याध्यापक म्हणून बदली जाली. ह्याच वर्साच्या डिसेंबर म्हयन्यांत ते विधानसभेचे वेंचणुकेक उबे रावन जैतीवंत जाल्ल्यान तांकां मुख्याध्यापक पदा वयल्यान रजा घेवची पडली. हे तरेन स म्हयने पोंबुर्प्यां शिकोवप करून तांचो आपल्या जल्म गांवांत अध्यापक म्हणून वावुरपाचो हावेस अर्दकुटो उरलो.

1995-2000 हीं पांच वर्सां सभापतीच्यो जबाबदऱ्यो तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी बेस बरे तरेन सांबाळ्ळयो. मात फुडले वेंचणुकेंत जैतीवंत जाले ना देखून अध्यापनाचे दिशेन वळ्ळे.

2000 वर्सा ते चोडणेंच्या सेंट बार्तोलोमेव विद्यालयांत रुजू जाले. हांगाचे शिक्षक आनी शिक्षिका भोव उमेदीचे आनी क्रियाशील आशिल्ले, जे वेग-वेगळे कार्यक्रम आयोजीत

करताले. हें पळोवन  तोमाझिन्यु कार्दोज हांकां खूब खोस भोगली. हेच उमेदीन तांणी विद्यालयांत एक प्रदर्शन आयोजीत करपाची युक्त शिक्षकवर्गाच्या कानार घाली. ह्या कार्याक भुरग्यां कडल्यान सकारात्मक प्रतिसाद  येवन तांणी एकूण 12,000 रुपयांची जोड केली. ह्या विद्यालयांत एकूण पांच वर्सां शिकोवन ते निवृत्त जाले.

जेन्ना 2002 वर्सा मनोहर पर्रीकार मुख्यमंत्री जाले तेन्ना तांणी शिक्षकांचीं निवृत्त जावपाचीं वर्सां 60 आशिल्लीं तीं 58 मेरेन देंवयलीं, तशेंच राज्य अध्यापन पुरस्कार मेळिल्ल्या शिक्षकाक आनीक एक वर्स अध्यापन करूंक मेळटलें असो नेम केलो. हो पुरस्कार तोमाझिन्यु कार्दोज हांकां फावो जावन 2004 वर्सा निवृत्त जावंचे बदला तांकां आनीक एक वर्स शिकोवपाक मेळ्ळें.

हें एक वर्स तांणी हडफडेंच्या सेंट जोझफ माध्यमीक विद्यालयांत काडलें, जें गोंयांतलें पयलें इंग्लीश माध्यमीक विद्यालय. हांगाय तांणी नव्यो येवजण्यो चालीक लायल्यो.

विद्यालयांत वादविवाद सर्त आयोजीत करपाचें तांणी शिक्षकवर्गाक सांगलें. पूण तांचे कडल्यान नकारात्मक प्रतिसाद मेळिल्ल्यान तोमाझिन्यु कार्दोजान “वादविवादांत आमी भाशा पळयनात तर भुरग्यांची युक्तिवादाची तांक पळयतात, देखून ही वादविवाद सर्त इंग्लीश भाशेंतूच जावपाक जाय अशें ना” (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 02 सेप्टेंबर, 2018). अशें सांगले उपरांत  तांची समजणी बदल्ली. उपरांत वादविवादाची रूच विद्यार्थ्यांक लावपाक तांणी अभिनेत्यांचेर एक ल्हानसो वादविवाद घडोवन हाडलो. हाका विद्यार्थ्यांचो भोव बरो प्रतिसाद पळोवन शिक्षकांनी त्या विद्यार्थ्यांक सकारात्मक वागणूक दिली. अशे तरेन थंय एक वर्स  शिकोवप करून, 30 एप्रील, 2005 दिसा ते निवृत्त जाले.

34 वर्सां शिक्षक आनी मुख्याध्यापक म्हणून वावुरतना शिक्षण पद्दती सुदारपी, प्रभावीपणान अध्यापन करपी, भुरग्यांक शिक्षणिकूच न्हय जाल्यार मानसीक रुपान वाडीर हाडपी, तांकां अर्थीक नदरेन पालव दिवपी अशी अनेक रुपांची ती व्यक्ती.

## 2.6.2 लेखक

आयज मेरेन तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी 30 पुस्तकां प्रकाशीत केल्यांत. जातूंत 17 तियात्रांचीं, 1 एकांकींचें, 3 कांतारांचीं, 2 कवितां संग्रह, 1 कथां संग्रह, इंग्लीश भांशेंतलीं 2 आनी देवनागरी भाशेंतले 3 निबंद संग्रह आनी 1 चरित्र आसपावता.

### 2.6.2.1 कवी

पंदरा वर्सांचो आसतना 1962 च्या शेवटाक तोमाझिन्यु कार्दोजान आपली पयली कविता *'कोंकणी म्हजी मांयभास'*, रचून मडगांवच्यान उजवाडा येवपी *'सत'* दिसाळ्याचेर प्रकाशीत केली. त्या काळार आपली कृती वर्तमानपत्राचेर येवप ही एक अभिमानाची गजाल आशिल्ली. हो अभिमान तांच्या काळजांत रिगून तांणी बरोवप चालू दवरलें. हे तरेन ते आठ-आठ दिसांनी कविता, लेख हे सारक्यो कृती बरोवन *'सता'* खातीर ते धाडपाक लागले.

तांची साहित्य बरोवपाची सुरवात कोंकणींतल्यान जाली आनी तांची ही स्फूर्त वाडत वचून 1986 वर्सा तांणी आपलो पयलो कवितां संग्रह *'पांकळ्यो'* रचून कोंकणी साहित्याक योगदान दिलें. ह्या काळार डॉ. मनोहरराय सरदेसायांच्यो कविता वाचून ते पुरायपणीं तांच्या कवितांतल्यान प्रोत्साहीत जाले. तशेंच सरदेसायांची, ल्हान कवितांतल्यान जायतें सांगून वचपाची कला तोमाझिन्यु कार्दोजान आपणायल्या कारणान *'पांकळ्यो'* संग्रहांत तांच्यो ल्हान कविता वाचूंक मेळटात. ह्या कवितां संग्रहाची प्रस्तावना सरदेसायांनीच बरयिल्ली आसा. तशेंच ह्या झेल्यांत तांणी समाजीक

विशय मांडून समाजांत जें घडटा तेंच वाचप्यां मुखार मांडलां. तांच्या मता प्रमाण जेन्ना बरोवपी आपल्याक आयिल्लो एक विचार आपले तांकी प्रमाण मांडटा आनी ताका तो भोव मानवता तेन्ना तो हेरांक आवडूं वा आवडनासूं; बरोवप्याक एक आगळीच धादोसकाय भोगता.

तांचो हो साहित्यीक प्रवास चालूच उरून 1990 वर्सा तांणी *'जीण'* हो दुसरो कवितां संग्रह उजवाडाक हाडलो जाची प्रस्तावना र. वि. पंडीत हांणी बरयिल्ली आसा. हातूंत तोमाझिन्यु कार्दोजाच्यो दीर्घ कविता आसपावल्ल्यो आसात.

सेगुंद ग्राव जातकच ते वेऱ्यां विद्यालयांत गेले. हांगाचे प्राचार्य, एक सुटके झुजारी आशिल्ले जे गणीत विशयाचें अध्यापन करताले आनी अध्यापन करतना हेर सुटके झुजाऱ्यांच्यो देखी दिताले. हाचो परिणाम तोमाझिन्यु कार्दोजाचेर जावन त्या काळांत तांणी देशभक्तीचेर जायत्यो कविता बरयल्यो आनी *'महान म्हजो देश'* हो आपलो तिसरो कवितां झेलो प्रकाशीत केलो. जातूंत तांच्या 13 कवितांचो आसपाव आसा ज्यो पयलीं *'सत'* दिसाळ्याचेर आनी सत हें *'दिवटी'* दिसाळ्यांत विलीन जातकूच *'दिवटी'* वर्तमानपत्राचेर आयिल्ल्यो.

ह्या काळांत तांणी कांतारांचेंय लिखाण केलें. तांचो व्हडलो भाव जुआंव कार्दोज वेळ मेळटा तेन्ना कांतारां बरयतालो आनी ही संवय तोमाझिन्यु कार्दोजाकूय लागली. भावान बेकरी घालतकूच तियात्राचें लिखाण तोमाझिन्यु कार्दोजाच्या वांट्याक आयलें आनी त्या तियात्राक कांतारांय तांणीच रचलीं. अशे तरेन तांकां कांतारांची ओड लागली. तशेंच तांणी 1960-70 च्या काळांत आपलीं चाळिशेक कांतारां आकाक्षवाणी वयल्यान वितरायलीं.  थेंबे (1984), मांडो आनी धुलपदां (1986) आनी 'महान म्हजो देश' हे कांतारांचे झेले प्रकाशीत जाले.

तियात्रांनी देशभक्तीचेर कांयच दाखयनात तें पळोवन तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी देशभक्तीचेर एक कार्यक्रम आयोजीत करचो थारायलो. हेर कोणाचो सांगात मेळूंक नासतनाय तांणी तो कार्यक्रम पांच शारांनी घडोवन हाडलो. तशेंच ह्या निमतान तांणी गोंय मुक्ती उपरांत बरयल्ल्या धा कवितांक चाली आनी संगीत दिवन कांतारां तयार केलीं. अशे तरेन *'महान म्हजो देश'* हो संग्रह तयार जालो, जाची सी. डी. लेगीत आयली. तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी हेरांकूय देशभक्तीचेर लिखाण करपाक उर्बा दिली (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 22 एप्रील, 2018).

### 2.6.2.2 निबंदकार

*'दिवटी'* आनी *'उजवाड'* हे सारक्या वर्तमानपत्रांचेर तोमाझिन्यु कार्दोज हांचे थोडे निबंद उजवाडा आयिल्ले. अध्यापन करच्या वर्सांनी तांचें निबंद लेखन चड प्रमाणांत जावंक ना. पूण 2005 वर्सा निवृत्त जातकच तांणी निबंद बरोवपांत नेट दाखयलो.

उपरांत अरूण सिन्हा ह्या संपादकान तांकां निबंद बरोवपाक प्रोत्साहन दिलें. तशेंच तांणी *'My Journey'* हो स्तंभ तोमाझिन्यु कार्दोजाचे सुवादीन करून तांकां मुखेलपणान राजकारणाचेर निबंद बरोवपाचो सल्लो दिलो कारण तांणी राजकारणा वरवीं जायत्यो घडामोडी केल्ल्यो आनी तांकां राजकारणाच्या मळार जायते गोड-कोडू अणभव मेळिल्ले.

अशे तरेची आपली बरपावळ तांणी  पुस्तक रुपांत हाडली आनी निबंदांचे पांच संग्रह उजवाडा हाडले. ते म्हणल्यार: My Journey (2007), पळयलां तें बरयलां (2008), As I See It (2008), पळयलां तें बरयलां -2 (2011), म्हजें गोंय... म्हजे विचार...(2017).

ह्या संग्रहांत राजकारण, शिक्षण, कला आनी संस्कृताय, पंचायती राज्य, समाजीक विशय, भाशा, चरित्र आनी हेर विशयांचेर तांणी निरंतर बरयलां. हे थोडे निबंद *'वावराड्याचो इश्ट'* आनी *'आमचो आवाज'* ह्या नेमाळ्यांचेर आयल्यात (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 02 मे, 2018).

**2.6.2.3 कथाकार**

कोंकणीचे चळवळी निमतान कोंकणीचे जायते म्हालगडे कथा बरयताले. तांकां पळोवन तोमाझिन्यु कार्दोजाकूय कथा बरोवपाक प्रेरणा मेळ्ळी.

तोमाझिन्यु कार्दोजान *'आमचो आवाज'* ह्या खबरे पत्रांक कथा बरोवपाक सुरवात केली. मात उपरांत दुसरें लिखाण करपाच्या वावरांत पडिल्ल्या कारणान तांचें कथा बरोवप तितल्या प्रमाणांत जालें ना. *'झेलो'* (1985) ह्या कथां संग्रहांत तांच्यो 10 कथा आसपावल्यात.

**2.6.2.4 एकांकीकार**

तांच्या स्कुलांत अध्यापन करच्या वर्सांनी दर बिरेस्तारा पणजेच्या त्रि. ब्रा. कुन्या सभाघरांत कोंकणी लेखक संघ हांची कार्यावळ घडोवन येताली. हे कार्यावळीच्या निमतान कोंकणी भाशेंत एकांकी, नाटकुलीं, गितां, आदी सादर करप जातालें. एका बिरेस्तारा हें सादरीकरण करप तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वांट्याक आयलें आनी तांणी *'चीट'* एकांकी बरोवन सादर केली.

तशेंच कला अकादमीन, आयोजीत केल्ले एकांकी सर्तींत भाग घेवचे पासत, ते एकांकींचें लेखन करपाक लागले. तांकां एकांकीची रूच लागून *'पुनर्दिश्ट'* ही एकांकी

बरयली आनी उपरांत 1981 वर्सा *'एकांकी नाटकुलीं'* हो एकांकी संग्रह तांणी उजवाडा हाडलो.

तांची *'पुनर्दिश्ट'* ही एकांकी दोन सेना अधिकाऱ्यांचेर आदारीत आसा. ह्या विशयाचेर *'इश्ट'* ह्या नांवान तांणी तियात्र लेगीत माचयेर हाडलो. *'चीट'* ही एक विनोदी एकांकी जावन आसा जाल्यार *'परिक्षा'* ही शिक्षणाचें म्हत्व पटोवन दिवपाचेर आदारीत आसा. अशे तरेन तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी साबार साहित्य प्रकारांची रूच घेवन, विंगड-विंगड विशयांचेर बरयलें (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 17 जून, 2018).

### 2.6.3 सरपंच

1963 वर्सा गोंयांत पयली पंचायत निवडणूक जाली. मात तोमाझिन्यु कार्दोज उणे पिरायेचे आशिल्ल्यान तांकां हे निवडणुकेक उबें रावूंक मेळूंक ना. हे खातीर वाड्या वयले एके अस्तुरेक मुखार हाडपाची युक्ती तांणी चालीक लायली आनी ती अस्तुरी निवडणुकेंत जैतीवंत जाली. अशे तरेन फुडलेय निवडणुकेक हाका-ताका ते प्रोत्साहीत करून मुखार हाडटाले. मात निवडणुके पासत जाय आशिल्ली पिरायेची पात्रताय पार करतकूच ते 1972 वर्सा स्वता निवडणुकेक उबे रावले आनी पंच म्हणून जिखून ते चार वर्सां पंचायतींत वावुरले. उपरांत 1977 वर्साची निवडणूक जिखून ते सरपंच जाले आनी त्या नात्यान वावुरले.

तोमाझिन्यु कार्दोज सरपंच जाले त्या काळार कांदोळे फकत दोन डांबरी रस्ते आशिल्ले. पूण सरपंच जावन तांणी कांदोळेचो दर एक मातये रस्तो डांबरी केलो. तेच तरेन कांदोळी वाठारांत ज्यो बांयो दुशीत आशिल्ल्यो त्यो निवळ करून परतून एकदां वापरा लायक केल्यो आनी कांदोळेच्या लोकांक उदकाची पुरवण केली. ते भायर, वाड्या-वाड्यांनी राबितो करतल्यांक विजेची सवलत तांणी पावयली. तेच तरेन उदकाच्यो खळयो तांणी

सारक्यो केल्यो, गरिबांचीं कामां केलीं. तांच्या मता प्रमाण हीं कामां ल्हान-ल्हान आशिल्लीं खरीं पूण ह्या निमतान ते लोकां मेरेन पावताले.

कांदोळेच्या इकरा वाड्यांतल्या स वाडयांनी तांणी व्हॉलीबॉलाचे कोर्ट बांदले. तेच तरेन सायपें आनी दांडो वाड्यार तांणी खेळां क्लबां उबारलीं, जंय भुरग्यांक बॅडमिंटन, कॅरम आनी टेबल टॅनीस हे सारक्या खेळांचो लाव घेवपाक मेळ्ळो. तांणी कांदोळेच्या लोकांक सुमार एकशें एकवीस संडासांचीय वेवस्था केली.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी जनतेचीं कामां करपाक केन्नाच लांच घेवंक ना. ते फकत आपल्या समाजा खातीर उकत्या मनान सेवा करीत रावले (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 15 जुलय, 2018).

### 2.6.4 राजकारणी

तोमाझिन्यु कार्दोज पांच फावटीं सरपंच म्हणून जैतीवंत जावन फामाद आशिल्ल्यान तशेंच आपल्या कामा कडेन तांचें प्रामाणीकपण पळोवन तांकां विधानसभेंत वचपाक लोक प्रोत्साहीत करताले. ह्या प्रोत्साहनाक तांणी सकारात्मक प्रतिसाद दिलो आनी विधानसभेचे वेंचणुकेक उबे रावपाक तांणी मान्यताय दिली. कांग्रेस पक्षाचे वांगडी आशिल्ल्यान तांकां कांग्रेस पक्षान तिकेट दिली आनी ते सहजपणान वेंचून आयले. उपरांत ते सभापती जाले. पूण तांच्या मता प्रमाण पंचायतींत काम करप आनी विधानसभेंत सभापती म्हणून वावरप ह्यो पुरायपणीं वेगळ्यो गजाली.

सभापतीचो हुद्दो सांबाळटना तांणी राष्ट्रीय तशेंच आंतरराष्ट्रीय परिशदांनी वांटो घेतला.

तशेंच कसलीय येवजण चालीक लावपाक अर्थीक पालव जाय आसता आनी तो मेळोवपाक भ्रश्टाचाराचो मार्ग आपणावचोच पडटा नाजाल्यार राजकारण्याचो

राजकारणांत तिगाव उणो जायत वता. हें आपणाक मात लेगीत मानव नासलें अशें कार्दोज हांचें म्हणणें (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 12 ऑगस्ट, 2018).

### 2.6.5 भाशा भक्त

विद्यालयांत आनी इगर्जेचे शाळेंत शिक्षणाचें माध्यम पुर्तुगेज आशिल्ल्यान तोमाझिन्यु कार्दोज हांचें मुळावें आनी धर्मीक शिक्षण पुर्तुगेज भाशेंत जालें. मात तांणी कोंकणी भाशेंत चीट बरोवंक शिकची अशी तांचे आवयची खर इत्सा आसली कारण तांच्या घरांत कोंकणी उलोवप जातालें. तशेंच तांचे आवय कडल्यान चीट बरोवन घेवंचे खातीर जायते लोक तिचे कडेन येताले. देखून ही कला आपल्या पुता भितरूय रुजची म्हणून तिणें तोमाझिन्यु 7-8 वर्सांचे आसतना तांकां कायतान पैरैर ह्या थळाव्या मनशा कडेन चीट बरोवंक शिकपाक धाडले. कायतानान तांकां रोमी लिपयेंत चीट बरोवंक शिकयलें.

घराब्यांत कोंकणींत उलोवप जातालें खरें, मात कोंकणींत बरोवप ते धा वर्सांचे पिरायेर शिकले. कांय तेंपान घरांतली अर्थीक स्थिती वायट जातकूच तांचे आवयक कामाक वच्चें पडलें आनी लोकांच्यो चिटी बरोवपाचें कार्य तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वांट्याक आयलें, आनी हांगासरल्ल्यानूच तांच्या मनांत कोंकणी भाशे विशीं मोग रुजलो.

तांच्यांत कोंकणी विशीं मोग ल्हानपणा सावन उत्पन्न जालो आनी उपरांत सर्ती खातीर बरयिल्ले चिटींतल्यान तो वाडीर येवपाक लागलो. तशेंच 1964 वर्सा तांणी तियात्राचें लिखाण करपाक जी सुरवात केली ती लेगीत कोंकणींतूच आशिल्ली. हे तरेन तांचें फुडलें लिखाण लेगीत कोंकणींतल्यान जालें, जावं तें तियात्रांचें, गितांचें, कवितांचें, एकांकींचें, कथांचें, निबंदांचें वा कांतारांचें.

तेच तरेन कोंकणीची संस्कृताय सांबाळून दवरपा खातीर हेर कोंकणी मोग्यां सयत तांणी त्रि. ब्रा. कुन्य सभाघरांत कोंकणी कार्यावळी घडोवन हाडल्यो जातूंत कोंकणी भाशेचो प्रचार जातालो. ते भायर *'महान म्हजो देश'* ह्या नांवान तांणी देशभक्तीचेर एक कांतारांचो कार्यक्रम घडोवन हाडलो. 1967 वर्सा जेन्ना गोंयांत *'ओपीनियन पोल'* ही राजकी चळवळ आनी मतदान जालें तेन्ना लेगीत भौसाच्या मनां-काळजांनी गोंय आनी कोंकणी विशीं आपलेपण जागोवपाक तांणी वावर केलो.

ही चळवळ जैतीवंत जातकूच गोंय संघप्रदेश उरलें खरें मात उपरांत कोंकणी भाशेक राजभाशेचो दर्जो मेळोवन दिवपाची धडपड सुरू जाली. सगळेच गोंयकार कोंकणीभाशी पूण कांय गोंयकार कोंकणीक मराठीची बोली लेखून आपली मांयभास मराठी म्हणटाले. ह्या वेळार तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी कोंकणीची ओड लोकांक लावपा खातीर साबार आव्हानांक फुडो केलो. ह्याच निमतान *'कोंकणी प्रजेचो आवाज'* ही समिती उबी जाली. हिचे ते पदाधिकारी नासले पूण तांणी कृतिशील भागेली जावन हे समितींत योगदान दिलें.

जाहीर सभा घडोवन हाडपाची आसल्यार, वेग-वेगळ्या तालुक्यांतल्या इगर्जांनी भेट दिवन लोकांचो ते सभेंत चडांत चड आसपाव करप, हें काम तोमाझिन्यु कार्दोज करताले. हें काम करता आसतना तांकां विरोधकां कडल्यान आपल्या घराचेर फातरांचो शिंवर लेगीत सोंसचो पडलो अशें ते सांगतात. असल्या सभांनी क्रिस्तांव लोक चड प्रमाणांत वांटो घेताले. अशें आसून, देवनागरी कोंकणींत समितीचे फलक (banners) पळोवन क्रिस्तांव लोकांनी "ही मराठी कोंकणी आमकां नाका" म्हणून अच्छेव केलो, कारण तांकां 'रोमी कोंकणी' हे एकेच लिपयेचें भान आशिल्लें. ह्या नाजूक वेळार कोंकणी भाशिकां मदीं लिपयेच्यो वणटी उप्रासच्यो न्हय म्हणून तोमाझिन्यु हांणी हो विशय अतिशय सादूरतायेन थातारून धरलो. पूण जेन्ना कोणाकूच कळीत करिनासतना

राजभास कायदो करून ह्या कार्यांत क्रिस्तांव भावांचो सांगात चड प्रमाणांत आसुनूय कोंकणीचे रोमी लिपयेक न्याय दिवंचे बदला देवनागरी लिपयेक हक्क मेळ्ळो अशी खंत ते उकतायतात.

तांणी 1970 वर्सा आपलें काजाराचें आपोवणें लेगीत कोंकणींत केलें. ते भायर खंयच्याय सुवाळ्याक लोक इंग्लीशींत आपोवणीं तयार करतात हाचें दुख्ख तोमाझिन्यु हांकां जावन तांणी कोंकणी भाशेंत सगल्या तरांचीं आपोवणीं आशिल्ली एक पटी तयार केली आनी ती गांवां गांवांनी वांटली.

तशेंच जल्मदीस वा हेर खास दिसां खातीर इंग्लीशींत अभिनंदन करतात हाचेर तांची नदर पडून तांणी *'आमचे दबाजे, आमचीं गितां'* ह्या माथाळ्या खाला दाल्गादो कोंकणी अकादमीच्या आदारान अभिनंदन गितांची कोंकणींत एक सी. डी. काडली. गांवां-गांवांनी ह्या गितांचें गायन करून लोकांक ते कोंकणीची ओड लायताले आनी तांचो हो वावर आजून मेरेन चालू आसा. तांच्या मतान तरणाट्यांचे जिणे पद्दतींत अस्तंतीकरण खोलायेन भरशिल्ल्यान तांकां कोंकणी वापरूंक सांगप भोव कठीण जाता (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 9 जानेवारी, 2018).

### 2.6.6 खेळगडी

अर्थीक त्रासांक लागून तोमाझिन्यु हांचें भुरगेंपण भोव कठीण परिस्थितींतल्यान गेलें. तांचे आवयन आनी भावान मात तांकां खेळा कडल्यान धादोसकाय भोगपाचें बंद केलें ना. वाड्या वयल्या भुरग्यां सांगातान ते कोंयडेबाल, गड्ड्यांनी, बियांनी आदी खेळ खेळपांत मग्न जाताले. उपरांत धर्मीक शिक्षण घेतना इगर्जेंत आशिल्ले कॅरम खेळाचे सवलतीचो तांणी लाब घेतलो. ह्या खेळांत फिशाल जावन आंतर महाविद्यालयीन कॅरम

सर्तीचे ते वस्ताद लेगीत जाले. ह्याच काळांत फुटबॉल खेळांतूय ते आपलें भुरगेंपण जियेताले.

तेच तरेन चोडणेंच्या विद्यालयांत मुख्याध्यापक म्हणून वावुरतना भुरग्यांक खेळां क्षेत्रांत लेगीत वयर काडपाक तांणी सर्ती घडोवन हाडल्यो. ह्या विद्यालयाचो खेळगड्यांचो पंगड सॉफ्ट बॉलांत पुराय गोंयांत वस्ताद जाल्लो. तरी लेगीत खेळटना लागपी लुंवां तांचे कडेन नात, हें पळोवन हो विशय पालकांचे बसकेंत तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी हाडलो आनी हे आयकून जमिल्ल्या पालकांनी भुरग्यांचे वाडी खातीर अर्थीक आदार दिलो.

भुरगेपणांत तांकां खेळां बाबतींत ज्यो सवलती मेळूंक नाशिल्ल्यो त्यो नवे पिळगेक मेळच्यो म्हणून तांणी भुरग्यां पासत 1966 वर्सा सायपें स्पोर्ट्स क्लब, डॉ. गुस्ताव फुटबॉल  मैदान, दांडो स्पोर्ट्स क्लब स्थापन करून तांकां बॅडमिंटन, कॅरम आनी टेबल टॅनिसा सारक्या खेळांच्यो सवलती दिल्यो. तेच परी तांणी कांदोळेच्या इकरा वाड्यांतल्या स वाड्यांनी  व्हॉलीबॉलाचे कोर्ट उबारले, जंय तांणीय आपली खेळपाची आवड  परत एकदां मुखार हाडून आनंद घेतलो (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 27 फेब्रुवारी, 2018).

### 2.6.7 पत्रकार

1962 वर्साच्यान *'सत'* हें दिसाळें मडगांव शारांतल्यान उजवाडा येवपाक लागलें. ह्या दिसाळ्याचेर लेख, खबरो, बी बरोवन तोमाझिन्यु कार्दोज छापपा खातीर धाडटाले. तांच्यो खबरो गांवांत चलिल्ल्या घडामोडींचेर आदारीत आसताल्यो, देखीक गांवच्या फेस्ताची खबर. तशेंच इंग्लीश वर्तमानपत्रां खातिरूय तांणी निरंतर लेख आनी पत्रां बरयलीं.

प्रभाकर तेंडुलकार *'गोंयकार'* ह्या नांवान सप्तकी नेमाळें उजवाडायताले. कांय कारणांक लागून तांणी तें बंद केलें. हें पळोवन तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी तांचे परवानगेन तें नेमाळें परत सुरू केलें. तें नेमाळें कोंकणींत रोमी लिपयेंत उजवाडा येतालें. ह्या नेमाळ्याचें तांणी तीन वर्सां संपादन केलें आनी ताचो दर्जो वाडयलो. हीं तीन वर्सां पत्रकारितेच्या मळा वयलीं तांचीं सुपीक अशीं वर्सां अशें ते सांगतात. कांय काळान फावो तितल्यो जायराती ना मेळनाशिल्ल्यान तांकां अर्थीक परिस्थिती कडेन झुजचें पडलें.

ते भायर *'ऊ हेराल्दु'* ह्या वर्तमानपत्रा खातिरूय काम करपाक तांकां आपोवणें आयलें. तशेंच *'आमचो आवाज'* ह्या कोंकणींतल्या रोमी लिपयेंतल्या एकसुऱ्या रंगीत नेमाळ्याचे ते संस्थापक संपादक जावन धडपडले. इतलेंच न्हय जाल्यार तांणी कोंकणी वांगडाच टाय्म्स ऑफ इंडिया, गोमंतक टाय्म्स हे सारक्या इंग्लीश दिसाळ्यां, नेमाळ्यां आनी म्हयनाळ्यां खातीर आपलें निरंतर योगदान दिलां. ह्या नेमाळ्यांनी तांचें मूळ कोंकणींतलें साहित्य अणकारीत जावन इंग्लीशींत येतालें. एप्रील 30, 2005 दिसा ते मुख्याध्यापक पदा वयल्यान निवृत्त जाले आनी दुसऱ्याच दिसा म्हणल्यार मेचे 1 तारकेर तांचो लेख उजवाडा आयलो, जो सेबास्त्यांव रुदोल्फ दाल्गादाचेर आदारीत आशिल्लो. हाचे उपरांत दर सुमानाक ते लिखाण करपाक लागले. असो तांचो हो पत्रकारितेच्या मळा वयलो वावर.

तांचे म्हणणे प्रमाण पत्रकारितेच्या मळार तांणी घेतिल्ले अणभव भोव म्हत्वाचे आसात कारण ह्या निमतान तांकां खबरांपत्राचे मांडावळींत योग्य तरेन सुदारणा हाडून, भौसाक खबरापत्रां कडेन आकर्शीत करपाच्यो युक्ती शिकपाक मेळ्ळयो. तांणी ह्या मळार केल्लीं कार्यां समाधानकारक थारलीं हें सांगपाक ते मात्तूय फाटीं सरनात (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 27 फेब्रुवारी, 2018).

### 2.6.8 मांडो मोगी

गोंय संस्कृतीक आनी समाजीक केंद्र, पणजी, ही संस्था सिने नॅशनलांत मांडो उत्सव आयोजीत करताली. तांकां ह्या उत्सवांत भाग घेवपाक एक संद मेळ्ळी. मात, एकदम मांड्यांत भाग घेवंचे बदला तांकां पयलीं एक मांडो उत्सव पळोवन घेवप योग्य दिसलें. अशे तरेन मांड्याचो अदमास घेवन तांणी स्वता *'कांदोळेचीं किर्णां'* पंगड रचून 1978 वर्सा *'सुंदर म्हजें गोंय'* हो आपलो पयलो मांडो सादर केलो.

उपरांत 1978 सावन निरंतर 17 वर्सां तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी ह्या मांडो उत्सवांत भाग घेतलो. ह्या 17तल्या 14 फावटीं तांच्या पंगडान उंचेलो *'मांडो पुरस्कार'* मेळयलो. हाचे भायर लिखाण, संगीत आनी सादरीकरणा खातीरूय तांकां हेर इनामां लाबल्यांत. तांच्या मतान कोंकणी कविता बरोवपाचो अणभव आशिल्ल्यान तांकां मांडो आनी धुलदां बरोवप कठीण लागनासलें.

तांचे हे कलेंतल्यान ते राजकारणाचेर आनी समाजांत घडटले अनितीचेर बडी मारतात. तांकांच पुरस्कार मेळिल्ल्यान साश्टीचे व्हडले-व्हडले पंगड मांडो उत्सवांत येवपाचे बंद जाले, देखून कांय काळ मांडो सादर करूंक वचपाचें तांणी बंद केलें. पूण परत तांकां मांडो म्होत्सहांत भाग घेवपाक आपोवणें आयलें आनी परतून एकदां ते मांड्यांत आपली प्रतिभा लोकां मुखार सादर करपाक लागले (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 27 मार्च, 2018).

## 2.7 तोमाझिन्यु कार्दोज: एक तियात्रिस्त

### 2.7.1 सुरवात

तोमाझिन्यु कार्दोज हांचो बापूय आसीस कार्दोज रेबॅक वाजयतालो आनी तियात्रांनी कांतारां म्हणटालो. तेच तरेन तांचो व्हडलो भाव जुआंव कार्दोज जो मुंबय काम करतालो तो भलायकी बरी ना जाल्ल्यान गोंयां आयलो आनी कांतारां घडपाक लागलो. सात-आठ वर्सांचो आसतना जुआंव 2 फेब्रुवारीक एकोशी पोंबुर्पे वर्साचें फेस्त जातालें त्या फेस्ताच्या तियात्रांत भाग घेवन तातूंत कांतारां म्हणटालो. तो घरा बसून सूर गुणगुणायतालो, कांतारां बरयतालो. हाचो प्रभाव तोमाझिन्यु कार्दोज हांचेर जायत गेलो. 1957 वर्सा जुआंवान *'अद्रुश्टी जिवीत'* नांवाचो आपलो पयलो तियात्र बरयलो. हो तियात्र ताणें सायपेंच्या कपेलाच्या फेस्ता दिसा सादर केलो आनी ह्या तियात्रांत ताणें इकरा वर्सांच्या तोमाझिन्यु कार्दोक हांकां एक कांतार म्हणपाक दिलें. ह्याच तियात्रांतल्यान ताचें लोकांक माचयेर पयलें दर्शन जालें.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी त्या कांताराचें गायन बरें केल्ल्या कारणान दर वर्सा ताका तियात्रांत एक-दोन कांतारां म्हणपाक दिताले. पिंतूस आनी ओर्दा सांताक्रूज ह्या दोनूय वाड्यांचेर तियात्र जाताले. हांगा जुआंव तोमाझिन्यु हांकां तियात्रांत कांतारां म्हणपाक व्हरतालो. अशे तरेन 1962 वर्सा मेरेन सायपेंच्या भुरग्यांक घेवन जुआंव दर वर्सा तियात्र बसयतालो आनी ह्याच निमतान तोमाझिन्यु हांकां कांतारां म्हणपाक संद मेळटाली. 1963 वर्सा सरकाराचे येवजणेचो लाभ घेवन जुआंवान सायप्यां बेकरी घाली. हे बेकरेच्या वावराक लागून जुआंवाक तियात्र बरोवपाक वेळ मेळनाशिल्लो देखून 1964 वर्सा तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी आपलो पयलो तियात्र रचलो आनी कांय कांतारांय रचलीं. ते तेन्ना 18 वर्सांचे आशिल्ले. गांवच्या भुरग्यांक घेवन तांणी तियात्र माचयेर हाडलो. हाचे उपरांत ते दर वर्सा तियात्र बरोवन माचयेर हाडपाक लागले. मागीर नेवीस

माशादु, रोमेल द मेलु, वॉली द मेलु ह्यो व्यक्ती तोमाझिन्यु कार्दोज हांचे वांगडी जाले आनी तियात्र सादर करून हो पंगड 'त्रियो' गावपाक फामाद जालो.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी *'खाशा भयण'* आपलो पयलो तियात्र 1964 वर्सा बरयलो. तोमाझिन्यु कार्दोज हांची भयण सात वर्सांची आसतना भायर पडिल्ली. ह्या कारणान तांकां भयणीचो मोग आनी सांगात अणभवूंक केन्नाच मेळ्ळो ना. एके भयणीचो मोग, ती कशे तरेन कुटुंबाक सांबाळपाची तांक दाखयता, ह्यो गजाली तांच्या मनांत आयल्यो आनी तांणी *'खाशा भयण'* हो तियात्र माचयेर हाडलो.

तियात्रांत तांणी भयणीची भुमिका पुरायपणान सकारात्मक रितीन दाखयल्या. जातूंत एका गिरेस्त कुटुंबांतलो चलो एके मध्यम वर्गीय कुटुंबांतले चलये कडेन लग्न जाता. ही चली लग्न जाले उपरांत नव्या कुटुंबाचेर आपलो अधिकार गाजयता. हे अस्तुरेक लागून कुटुंबांत जायतो घुसपागोंदळ जाता. अशें करून ही अस्तुरी नव्या कुटुंबा कडेन तशेंच आवयल्या कुटुंबा कडेन संबंद तोडटा आनी आपल्याक दोनूय कुटुंबांचीं दारां बंद करता. जेन्ना तिच्या जिवितांत प्रसंग येता तेन्ना दोनूय घराबे तिका पयस दवरतात. ह्या वेळार तिच्या घरकाराची भयण तिका आदार दिता; ती एका मध्यम वर्गीय घराब्यांत लग्न जाल्ली आसता.

तांचो हो तियात्र कुटुंबांतल्या नात्यांचेर आदारीत आसा. कुटुंबाच्या वांगड्यां मदीं मोग कसो आसचो, खास करून भाव-भयणां मदीं नातीं कशी-कितें आसचीं हाचेर तांणी उजवाड घाला. तातूंत भयणीची मुखेल भुमिका आसा. तोमाझिन्युन कार्दोज हांणी बरयिल्लो हो पयलो तियात्र तांणी कांदोळेच्या सायपें वाड्यार, *'नोसा सिन्योरा दी देस्तेरु सायबिणीचे'* परबे दिसा 1964 वर्सा सादर केलो. भयणीच्या मोगाच्या उणावाक लागून तशेंच आयज आपली भयण जिवी आसली जाल्यार ती कशी आसतली आसली हें मनांत दवरून तांणी हो तियात्र बरयलो (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 22 एप्रील, 2018).

### 2.7.2 गांवच्या भुरग्यांक घेवन तियात्र

गांवच्या भुरग्यांक घेवन तियात्र करतना तोमाझिन्युच्या पंगडाक तियात्रांत कितें तरी नवें करपाची कल्पना आयली. ही कल्पना चालीक लावपाक तांणी तसो वावरूय केलो. तांचें हें नवेंपण म्हणल्यार :-

#### 2.7.2.1 घुंवपी माची

1967 वर्साच्या सुमाराक तोमाझिन्यु कार्दोज आनी तांचो इश्ट नेवीस माशादु मराठी नाटकां पळयताले. प्रभाकर पणशीकर हांची मुखेल भुमिका आशिल्या बरयल्ल्या *'तो मी नव्हेच'* ह्या मराठी नाटकांत तांणी घुंवपी माची (Revolving Stage) वापरांत हाडिल्ली पळयली, जातूंत एकूच अभिनेतो सात जाणांची भुमिका करतालो. हाची प्रेरणा घेवन तांणी घुंवपी माची आपल्या तियात्रांत हाडपाचो प्रयत्न केलो.

शेजराक चिंचेचें झाड पडिल्लें तांणी पळयलें आनी ते चिंचेचो वापर रिव्हॉल्हींग माची करपा खातीर केलो. ह्या तियात्र पंगडान ती चींच स्थानीक थवयां लागीं व्हरून दिली. ताणें ती चींच वयल्यान कातरली, मदीं बुराक मारलो, त्या बुराकांत एक खांबो घालो आनी त्या खांब्याक दांडे लावन घट केलो. उपरांत त्या दांड्यांचेर फळयो घाल्यो. मराठी नाटकांत वापरिल्ले रिव्हॉल्हींग माचयेक तांत्रीक विद्देचो पालव आशिल्लो आनी ती वाटकुळी आसली. पूण ह्या पंगडाची माची चौकोनी आशिल्ल्या कारणान जेन्ना ती घुंवडावपाक जाय आसली तेन्ना तिचो एक कोनसो खरे माचयेक तेंकलो आनी हाका लागून तांचे हे येवजणेक अपेस आयलें.

#### 2.7.2.2 साडयांचो पड्डो

1968 वर्साच्या अदमासाक तोमाझिन्यु कार्दोजाक तियात्राच्या मळार दुसरी येवजण सुचली ती पड्ड्यांच्या संदर्भांत. सदांच तियात्र करतना रस्त्याच्या पड्ड्याचो वापर

जातालो. ह्या पड्ड्या बदला, एक बरो साडयांचो पड्डो तयार करून तो आपल्या तियात्रांनी वापरचो असो विचार तांच्या मनांत आयलो. उपरांत, हालींच काजार जालां त्या घरांनी तांणी साडयो मागल्यो आनी नव्या काजारी बायलांनी आपल्यो बऱ्यो बऱ्यो साडयो तांचे सुवादीन केल्यो. त्यो साडयो शिंवून एक पड्डो तयार केलो जो पळोवपाक चकचकीत आनी भोव सुंदर दिसतालो. तियात्र सादर करतना जेन्ना पड्डो वयर काडलो तेन्ना ज्या बायलांनी आपणाल्यो साडयो दिल्ल्यो त्यो आपणाल्यो साडयो पिड्ड्यार केल्यो म्हूण उलोवपाक लागल्यो. ह्या कारणान जो पड्डो वयर व्हेल्लो तो तांच्यांनी परत सकयल हाडलो ना आनी ताचे बदला दुसरो पड्डो वापरलो.

हे फावट लेगीत तांकां अपेस आयलें; मात हें सगळें करपा फाटलो तांचो एकूच हेत आसलो तो म्हणल्यार, तियात्रांत कसलें तरी वेगळेंपण हाडप (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 22 एप्रील, 2018).

### 2.7.3 कला अकादमी तियात्र सर्ती खातीर नवेपणां

तोमाझिन्युच्या मतान तियात्राचो दर्जो वयर आयलो वा ताका आधुनीक बाजू मेळ्ळी ती फक्त कला अकादमीन आयोजीत केल्ले तियात्र सर्तींक लागून आनी तिणें फावो केल्ल्या सवलतींक लागून. आदींच्या काळांत हेर तियात्रिस्त करतात म्हणून आपणें करप अशें जातालें. पूण जेन्ना पयलो तियात्र उत्सव 1974 वर्सा जावन दुसरो तियात्र उत्सव येवचे आदीं कला अकादमीन 8-10 दिसांची एक कार्यशाळा आयोजीत केली तेन्ना तांकां तियात्रांत वापरतात ते दर एके गजालीक अर्थ आनी कारण आसूंक जाय हें कळून आयलें.

ही कार्यशाळा मराठींतलो नामनेचो दिग्दर्शक विजय केंकरे हांणी घेतली. तांणी तियात्रांतलो अभिनय, दिग्दर्शन, माचये वेवस्था, उजवाडा येवजण, ध्वनी येवजण, संगीत आदी गजालींचो उपयोग आनी तांचें म्हत्व पटोवन दिलें. आदीं ज्यो गजाली ते

करूंक जाय म्हणून करताले त्या गजालींचो आतां योग्य उपयोग जाणा जावन करपाक लागले. देखून तांचे उपरांतचे तियात्र अदीक बरे आनी दर्जेवंत जावपाक लागले. कला अकादमी सर्तीच्या पयल्या 7-8 वर्सांनी तांणी कितें ना कितें तरी नवेंपण हाडपाचो यत्न केला.

### 2.7.3.1 बल्बाचो वापर

तियात्रांत कसलोय संकेत दिवपाक पिल्लूक वाजयताले. देखीक, एकदां पिल्लूक मारप म्हणल्यार बॅण्ड वाजोवप तशेंच दोन फावटीं पिल्लूक मारप म्हणल्यार पड्डो वयर काडप. ही तरा सोडून दिवन कला अकादमीच्या पयल्याच तियात्र उत्सवांत तोमाझिन्युच्या तियात्र पंगडान पिल्लूक वापरचे बदला बल्बाचो वापर केलो. म्हणल्यार कसलोय संकेत दिवपाक बल्ब पेटोवप. देखीक, संगीत वाजय म्हणून सांगपाक. ही कल्पना पयलेच फावट *'इन्स्पॅक्टर'* तियात्रांत 1974 वर्सा दिसून आयली.

### 2.7.3.2 छाया प्रतिमेचो उपेग

छाया प्रतिमेचो उपेग (Shadow Play) कसलोय देखावो चड प्रभावी करपाक जाता. हातूंत धव्या पड्ड्या फाटल्यान  देखावो दाखोवप जाता. हे छाया प्रतिमेची कल्पना तांकां एक सिनेमा पळोवन आयली. जातूंत खुना घडणूक छाया प्रतिमेचो उपेग करून दाखयिल्ली. हें पळोवन ह्या पंगडान हो छाया प्रतिमेचो उपेग आपल्या तियात्रांत हाडपाचो प्रयत्न केलो. छाया प्रतिमेचो उपेग करपाक तांणी हांसयणो देखावो घालो. 1974 वर्सा तियात्रांत छाया प्रतिमेचो पयलो उपेग तोमाझिन्यु कार्दोजान केलो आनी उपरांत ही कल्पना हेरांनीय आपणायली.

### 2.7.3.3 पात्रांची वळख करप

1975 वर्सा कला अकादमीन आयोजीत केल्ल्या दुसऱ्या तियात्र उत्सवाक, *'आयचो समाज'* हो तियात्र सादर करतना माचयेर पात्रांक उबे करून तांची वळख करून दिवप जालें. पात्रां माचयेर थारायिल्ले सुवातेर उबीं रावतालीं. दर एका पात्राचेर उजवाड केंद्रीत जातालो आनी तांचीं नांवां तांणी केल्ल्या पात्रांचीं नांवां सांगून तशेंच तांच्या भुमिकांचें ल्हानशें वर्णन करप जातालें.

### 2.7.3.4 फ्लॅशबॅक

तियात्र सादर करतना भूतकाळांत घडिल्ली गजाल दाखोवप खूब कठीण जाता. सिनेमांनी फ्लॅशबॅक वापरून हें सोंपें जाता. ही कल्पना 1976 वर्सा तिसऱ्या तियात्र उत्सवाक *'इश्ट'* तियात्रांत तांणी वापरली आनी ती सादरीकरणाचे नदरेंतल्यान येसस्वी जाली. पूण उपरांत ही कल्पना प्रेक्षकांक तितली समजूंक ना हें कळ्ळें कारण ही एक नवीच तरा प्रेक्षकां मुखार सादर जाल्ली.

### 2.7.3.5 हिंदू पात्रांची भुमिका

1977 वर्सा चवथ्या तियात्र उत्सवांत *'काळोख आनी उजवाड'* तियात्र सादर जालो. तियात्रांत हिंदू आनी क्रिस्तांव अशीं दोन कुटुंबां दाखयलीं जातूंत हिंदू पात्रांचो अभिनय हिंदू कलाकारांनीच केलो.

### 2.7.3.6 दोन पर्यायां मदीं पात्राची शिरकणी

1977 वर्सा *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांत तांणी कांय पात्रां दोन पर्यायांमदीं शिरकल्लीं दाखयलीं. वेगवेगळ्या रंगांचो उजवाड आनी आवाज हांकां लागून हो देखावो प्रभावी जालो.

### 2.7.3.7 पात्रां गोठोवप

1977 वर्सा, *‘काळोख आनी उजवाड’* तियात्रांत दर एका देखाव्याचो शेवट प्रभावी करपाक, देखावो उत्कट बिंदूचेर (climax) हाडून देखाव्याच्या शेवटाक पात्रांक गोठोवन दवरपाचें तंत्र  वापरलें.

### 2.7.3.8 संकेत योजना

संकेत-येवजणेंत माचयेर सादर जावपी दर एक हालचाल स्पश्टपणान अभिनय करून दाखोवंचे बदला ती खुणेन वा संकेतान दाखोवप जाता. तशेंच, माचये वेवस्था बारीकसाणी वा विस्तृत करचे बदला ती सुचीत आसता. ह्यो कल्पना 1978 वर्सा पांचव्या तियात्र उत्सवाक *‘हांवूच तो’* तियात्र सादर करतना वापरांत हाडल्यो.

### 2.7.3.9 एकूच माचये वेवस्था

सामान्यतायेन तियात्रांत घर, पोरसूं आदी दाखोवपाक वेगवेगळी माचये वेवस्था करप जाताली, कारण एकेच माचये वेवस्थेचेर पुराय सादरीकरण जावपी तियात्र बरोवप भोव कठीण. 1979 वर्सा सव्या तियात्र उत्सवांत *‘अंतस्कर्ण आनी कायदो’* ह्या पुराय तियात्रा खातीर एकूच माचये वेवस्था वापरप जाली.

### 2.7.3.10 पाश्र्वसंगीत

सर्वसादारणपणान तियात्राक तशेंच कांतारांक साथ दिवपाक तेन्नाच दिल्ल्या संगिताचो वापर करतात. 1979 वर्सा *‘अंतस्कर्ण आनी कायदो’* ह्या तियात्रांत पयलींच मुद्रीत केल्लें पाश्र्वसंगीत (Recorded background music) वापरून तियात्र चड प्रभावी केलो.

### 2.7.3.11 सुरवात आनी शेवट करपाची एक नवी कल्पना

1981 वर्सा आठवे तियात्र सर्तींत *'उतरां आनी कोरण्यो'* तियात्र सादर जालो. त्या तियात्रांत एक कादंबरीकार आपली कादंबरी बरोवपाक आरंभ करता अशी ताची सुरवात जाता. तो जें कितें बरयता ताचें सादरीकरण जाता. निमाणे कडेन कादंबरीकार आपली कादंबरी बरोवन सोंपयता असो तियात्राचो शेवट जाता.

### 2.7.3.12 भुरग्यांली रंगमाची

1992 वर्सा अठराव्या तियात्र उत्सवांत *'भुरगें जिवीत'* तियात्र सादर जालो. अनाथ भुरग्यांच्या जिविताचेर आदारीत हो पुराय तियात्र भुरग्या कलाकारांनीच प्रस्तूत केलो (Cardozo, Our Efforts At Improving The Tiatr Stage 51-53).

### 2.7.4 तियात्रांक मेळिल्लीं इनामां

तोमाझिन्यु कार्दोज अशी व्यक्ती जी आपल्या तियात्रांनी एक एक नवेंपण हाडून ते तियात्र उंचेल्या पांवड्यार पावयतात. ह्या कारणान तांकां हेरां परस चड इनामांय मेळपाक लागलीं.

वचत तो लोक तुमीच इनामां व्हरतात अशें म्हणपाक लागलो म्हणून तांणी मदीं चिंतलें, थोडो तेंप वचनासतना रावप. ते वचनासतना रावले खरे, पूण वर्साक एक तरी तियात्र घडोवन हाडूंक लागले. पूण उपरांत कला अकादमीचे वांगडी म्हणपाक लागले, "तुमी कित्याक येनात? अशे तरेन तियात्राचो दर्जो सकयल वता" हाका लागून तांकां परत एकदां सर्तींत वांटेकार जावचें पडलें.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या मता प्रमाण इनामां मेळप हें दर एकल्याच्या सादरीकरणाचेर आदारीत आसता. तशेंच जो चड पोटतिडकीन काम करता तो अदीक येसस्वी जावंक पावता. तांणी एकूण 46 तियात्र सर्तींतल्या 32 सर्तींनी भाग घेवन, आठ फावटीं पयलें,

चार फावटीं दुसरें आनी स फावटीं तिसरें इनाम उत्तम दाखोवणे खातीर मेळोवन घेतलां. णव  फावटीं प्रथम, पांच फावटीं दुसरें आनी एके फावट तिसरें इनाम  दिग्दर्शना खातीर मेळोवन घेतलां तशेंच आठ  फावटीं प्रथम, सात फावटीं दुसरें आनी एके फावट तिसरें इनाम  बरपावळी खातीर मेळोवन घेतलां ('कला अकादमी तियात्र सर्तींचीं इनामां' हें परिशिश्ट पळोवंचें).

## 2.7.5 तियात्र पुस्तक रुपान

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या मनांत एक प्रस्न पडलो की जो तियात्र आमी करतात तो फुडले पिळगेक उरत? उपरांत जेन्ना तांणी  जुआंव आगुस्तीनाचो वावर पळयलो आनी तांणी पुस्तकां रचल्यात हें कळ्ळें तेन्ना तांकां दिसलें की आपणेंय पुस्तकां प्रकाशीत करचीं जीं फुडल्या पिळग्यांच्या वापरांत येतलीं. तियात्राचो साहित्यीक विकास जावपा खातीर तियात्राची संहिता तयार करप म्हत्वाची. हेर भाशांच्या मानान तियात्र क्षेत्रांत हें घडना. हे खातीर आपले तियात्र प्रकाशीत करपाचो पुराय यत्न तोमाझिन्यु  कार्दोज करतात. आयज एक तियात्रिस्त तियात्र बरयता ताका 20-25 वर्सांनी कोण वळखुचो ना. पूण  ताच्या तियात्रांचीं पुस्तकां आसलीं जाल्यार त्या तियात्रिस्ताची वळख शेणची ना, अशें तांचें म्हणणें.

तोमाझिन्यु कार्दोजान हेरांकय आपले तियात्र प्रकाशीत करपाक आगरो केलो. पूण तांकां फावो तो प्रतिसाद मेळूंक ना. तियात्रिस्त आपल्या तियात्राच्यो सिडी वा कॅसेटी काडटात कारण तांची विक्री आसा आनी विक्री जाता जाल्यार फायदो आसा. तियात्र प्रकाशीत करपांत फायदो नाशिल्ल्यान हेर तियात्रिस्त आपले तियात्र उजवाडा हाडिनात, अशी ते खंत उकतायतात (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 02  मे, 2018).

तोमाझिन्यु कार्दोजाच्या मतान तियात्राची साहित्य रुपान वाड करपाक तियात्रिस्तांची बरपावळ तियात्राचे पद्दती नुसार आसप भोव म्हत्वाचें. तशेंच तांचे लिखणेक चडांत-

चड इनामां मेळ्ळयांत हाचे विशीं ते म्हणटात: ‘तियात्र, कविता वा खंयचेय साहित्य कृतीची बरपावळ करतलो जाल्यार लेखक त्या विशयांत परिपक्व आसचो पडटा. तेच तरेन एका विशयाक आनीक कितल्या भासांनी गिरेस्त करूं येता हाचेर लेखकान विचार करप गरजेचें. हे खातीर ताका त्या विशयाचेर संदर्भ सोदचे पडटात आनी समाजांतल्यो घडामोडी खोलायेन पळोवन तांचेर विचार करचो पडटा. अशें केल्यारूच जेन्ना लेखक बरयता तेन्ना ताच्या मनांत जायत्यो वस्तू येतात आनी त्यो वस्तू घालून ती बरपावळ गिरेस्त करूं येता.’ (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 02 मे, 2018).

सुरवातीक तोमाझिन्यु कार्दोज आपुणूच तियात्र बरोवन सादर करताले. हे खातीर तांचे बरपावळींत चुकी आसपाची शक्यताय आसताली. देखीक: आकाशवाणीचेर ‘एका गांवची काणी’ ही माळ तोमाझिन्यु कार्दोज चलयताले. हातूंत आदल्या काळाचें कथानक आसलें. एका वांट्यांत विजेचो उल्लेख जालो जो येवंक फावो नासलो कारण त्या काळांत विजेचो सोद लागूंक नासलो. ही चूक एकल्यान तोमाझिन्यु कार्दोज हांचे नदरेक हाडली आनी उपरांत तांणी ती सारकी केली.

तियात्र पंगड तयार जातकच असल्यो चुकी जावंच्यो न्हय म्हणून तोमाझिन्यु कार्दोजान एक नवी पद्दत वापरांत हाडली. ती म्हणल्यार बरोवचे पयलीं पंगडा बराबर बसून एक विशय वेंचून काडप आनी त्या विशयाचेर भासाभास करप. अशें करतकूच दर एकल्याच्या मताक तशेंच आधुनीक तंत्रगिन्यानाच्या पालवाक लागून जायती माहिती आनी दिशा-निर्देश मेळटा. हाच्या आदारान बरपावळ तयार जातकच ती सगळयां मुखार वाचप जाता आनी परतून एकदां तांच्या मार्गदर्शनान दोश काडून उडोवंक जातात. ‘हेरां कडेन विशया विशीं चर्चा करून संहिता निर्दोश जावं येता’, असो सल्लो तोमाझिन्यु कार्दोज दितात (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 02 मे, 2018). तोमाझिन्यु

कार्दोजान आपलो पयलो तियात्र *'कांटेच कांटे'* 1980 वर्सा प्रकाशीत केलो. उपरांत ते तियात्राचीं पुस्तकां उजवाडाक हाडीत रावले.

## 2.7.6 तोमाझिन्यु कार्दोजाचे तियात्र वेवसायीक मळार

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या मतान वेवसायीक मळार जे तियात्र जातात तातूंत जे तियात्रिस्त आसात ते लोकांक जाय तेंच दितात. लोकांक हांसपाक जाय, ते हांसपाचें घालतात; लोकांक आनीक कितें आवडटा तें घालतात. जेन्ना तोमाझिन्यु कार्दोज तियात्र बरयतात, ते लाकांचें चिंतिनात. तियात्र लोकांक मानूं वा ना मानवनासूं तांचें ते चिंतिनात. ते फकत चिंत्तात की जो तियात्र तांणी रचला तो कशे तरेन माचयेर येतलो; कशे तरेन सादर जातलो. आनी जेन्ना लोकांक जाय तशें आमी दिनात तेन्ना ते तियात्र वेवसायीक मळार चडशे चलनात अशें मत तांणी व्यक्त केलें.

"तुमचो तियात्र *'हॅलो आंकल'* वेवसायीक माचयेर व्हरपाचो प्रयत्न केलो तेन्ना तुमचो अणभव कसो आसलो?" असो प्रस्न केलो तेन्ना तांणी हे तरेन जाप दिली: तियात्र दाखोवपाक सभाघरां सोंपेपणीं मेळनात. हेर सभाघरां मेळनात देखून हो तियात्र विद्या निकेतनांत करपाचो थारायलो. पयलो शो जालो तेन्ना सुमार 200-250 लोक आयलो प्रतिसाद बरो मेळिल्ल्यान दुसरे फावटीं तेच सुवातेर तियात्र घालो आनी 400-500 लोक थंय जमलो. तिसरे फावटीं आयतार मेळिल्ल्यान सभाघर भरलें आनी थोड्या लोकांक घरा वच्चें पडलें. जेन्ना परत घालपाचे चिंतलें तेन्ना अशें जालें की सभाघरां मेळना जालीं. आनीक एक आडखळ आयली ती पंगडांतले वांगडी सरकारी नोकरेक आशिल्ल्यान तांकां खंयच्याय वेळार येवंक मेळना जालें. हाचेर अदीक सांगतना तोमाझिन्यु कार्दोजान म्हणलें, ह्या फुडें जो तियात्र आमी बसयतले तातूंत मर्यादीत वांगड्यांक घेवन तियात्र रचणूक जातली. गांवांनी तियात्र घेवन वचनात हाचीं कारणां दितना तोमाझिन्यु कार्दोजान सांगलें, तियात्र सादर करपाक ज्यो सवलती जाय, त्यो

सगळ्यो गांवांनी मेळनात. जो तियात्र कला अकादमीचे माचयेर तूं दाखयता तो तियात्र तुका गांवांनी दाखोवंक मेळना. आनी सगल्यांत मुखेल म्हणल्यार गांवांत धड संडास आसनात;  बायलो, चलयो आसतात आनी हे सगळे त्रास पळोवन गांवांनी तियात्र करपाचें बंद केलें (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 02  मे, 2018).

## 2.8  वेगवेगळया संस्थांनी केल्लो वावर आनी पदां

तोमाझिन्यु कार्दोजान वेगवेगळया संस्थांनी वावर केल्लो पळोवंक मेळटा. देखीक: ‘सायपें स्पोर्ट्स क्लब’, कांदोळेचीं किर्णां, कला मोगी कांदोळीं, ऑल गोवा पंचायत परिशद, इंडियन स्टुडण्ट एड फावण्डेशन, दाल्गादो कोंकणी अकादमी, तियात्र अकादमी गोंय, आदी. दर एके संस्थेंत तांचो वावर मोलादीक आनी फळादीक जाला.

### 2.8.1  सायपें स्पोर्ट्स क्लब

तोमाझिन्यु कार्दोज एक खेळगडी आनी खेळाचो मोगी.  फुटबॉल, व्हॉलिबॉल, कॅरम असले खेळ ते खेळटाले तशेंच आंतर महाविद्यालयीन स्तराचेर तांचें योगदान आसा. हेच खातीर खेळाक बडटी दिवपा पासत तांणी खेळा संबंदीं वावराक सुरवात सायपेंच्या तरणाटयां मजगतीं केली. लुकास कार्दोज, ज्योकी इनासियु कारव्हाल्यु, नेवीस माशादु, जुआंव कार्दोज आनी हेर हांणी ‘सायपें स्पोर्ट्स क्लब’ हो पंगड 1966 वर्सा जानेवारीचे एक तारखेर  घडोवन हाडलो. हो क्लब आयज मेरेन क्रियाशील आसा आनी 2006 ह्या वर्सा जानेवारीचे एक तारखेर ह्या क्लबान आपलो भांगरा  उत्सव  मनयलो.

### 2.8.2  कांदोळेचीं किर्णां

गोंयची लोक संस्कृताय राखून दवरपा खातीर तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी तेन्नाचो कांदोळेचो संरपंच डॉमनीक कार्दोज,  फ्रांसिस्कु आनी बेल्बा ब्रितु हांच्या सांगातान

*'कांदोळेचीं किर्णां'* संस्कृतीक पंगड घडोवन हाडलो. ह्या पंगडान जायतीं इनामां, खास करून वर्सुक्या मांडो उत्सवांत मेळयल्यांत.

### 2.8.3 कला मोगी कांदोळीं

संस्कृतीक दायज सांबाळून दवरचें म्हणून तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी तांच्या इश्टां बराबर *'कला मोगी कांदोळीं'* हो पंगड 1979 वर्सा घडोवन हाडलो. कला मोगी ह्या पंगडान जायत्या फावटीं तियात्र सर्तींत वांटो घेतिल्लो आसा तशेंच जायतीं इनामां तांणी मेळयिल्लीं आसात.

### 2.8.4 ऑल गोवा पंचायत परिशद

तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी राजकी मळार सरपंच जावन पावल दवरलें आनी एका सरपंचाच्या नात्यान गोंयच्या पंयचायतीं पासत कितें तरी करचें हो विचार तांकां आयलो आनी होच विचार फुडें व्हरूंक, गोंयच्या पंचायतींच्या ह्क्कां पासत, पिर्णाचो सरपंच विनायक नायक, चोडणेंचो सरपंच प्रेमानंद म्हांबरें, आमोणेंचो सरपंच डॉमनीक फेर्नांदीश, अशे तरेन पुराय गोंयच्या सरपंचां बरोबर *'ऑल गोवा पंचायत परिशद'* 1980 वर्सा घडोवन हाडली. तोमाझिन्यु कार्दोज तिचो संस्थापक सचीव आसलो. जेन्ना गोंयच्या पंचायतीचे हक्क उणे जाल्ले दिश्टी पडटात तेन्ना परिशद हक्कान गोंय सरकारा कडेन झुजता.

### 2.8.5 इंडियन स्टुडण्ट ऐड फावण्डेशन

शिक्षणाच्या मळार तांणी *'इंडियन स्टुडण्ट एड फावण्डेशन '* ही संस्था घडोवन हाडली. जर्मनीचो रुदोल्फ स्वॉटर्ज हाणें हे संस्थेक अर्थीक मदत दिल्या. ही संस्था तांणी दोगांनीय 1988 वर्सा स्थापीत केली. हे संस्थेचें म्हत्वाचें कार्य म्हणल्यार ही संस्था गरीब

भुरग्यांच्या शिक्षणा खातीर तांकां अर्थीक मदत करता. ही संस्था मेजक्याच गरीब भुरग्यांक विंचून काडटा आनी तांकां फुडलें शिकप करूंक अर्थीक मदत दिता. हे संस्थेची बुन्याद तोमाझिन्यु कार्दोजान घाली. हे संस्थेच्या आदारान जायतीं गरीब दुर्बळ भुरगीं फुडें आदवोगाद, अभिनेते, दोतोर, बी जावंक पावल्यांत.

### 2.8.6 दाल्गादो कोंकणी अकादमी

रोमी लिपी सांबाळचे खातीर तशेंच कोंकणी भाशेचे सुदारणा पासत तोमाझिन्यु कार्दोजान फा. प्रताप नायक, प्रभाकर तेंडुलकार आनी फादर फ्रेडी जे. दा कोश्त हांच्या सांगातान *'दाल्गादो कोंकणी अकादमी'* 1988 वर्सा स्थापन केली. कोंकणी भाशेची उदरगत करपाच्या मळार दाल्गादो कोंकणी अकादमीचो वावर चालूच आसा. 2016 वर्सा तोमाझिन्यु कार्दोज हे अकादमीचो अध्यक्ष जाले.

### 2.8.7 तियात्र अकादमी गोवा

2002 वर्सा गोंय सरकारान गोंयचें संस्कृतीक धोरण (Cultural Policy of Goa) तयार करचे खातीर एक समिती निर्मिली. नंदकुमार कामत हांकां अध्यक्षाचें पद दिलें. नाटककार पुंडलीक नायक आनी तियात्रिस्त तोमाझिन्यु कार्दोज हांचो हे समितींत आसपाव आसलो. गोंयची संस्कृताय कशी सांबाळची, तिगोवची आनी फुलोवची हे संबंदींच्या धोरणाची आंखणी करप हो समितीचो हेतू आसलो. तियात्र ही गोंयची संस्कृताय, ती कशी सांबाळची, तिगोवची आनी फुलोवची हे संबंदीं तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी आपले म्हत्वाचे प्रस्ताव मांडले. तातूंतलो एक प्रस्ताव म्हणल्यार तियात्र अकादमीची उबारणी जावंची.

2009 वर्सा हो प्रस्ताव फळाक आयलो, म्हणल्यारूच तियात्र अकादमीचो जल्म जालो. तोमाझिन्यु कार्दोजाक पयलो अध्यक्ष जावपाचें भाग्य फावलें. तांकां अध्यक्षपण

चलयतना मुळावणाचो वावर करचो पडलो. तांणी हे संस्थे खातीर म्हत्वपूर्ण आनी अर्थपूर्ण येवजण्यो चालीक लायिल्ल्यो दिसतात.

### 2.8.8 शिक्षक आनी मुख्याध्यापक म्हणून वावुरतना हेर समित्यांनी योगदान

गोंय मुख्याध्यापक मंडळ, गोवा बोर्ड ऑफ सॅकंडरी एण्ड हायर सॅकंडरी एडुकेशन (गवर्नींग कांवन्सील), गोवा बोर्ड ऑफ सॅकंडरी एन्ड हायर सॅकंडरी एडुकेशन (एग्जामिनेशन), गोवा स्कूल एडवायजरी बोर्ड, डायोसिजन सोसायटी ऑफ एडुकेशन ह्या संस्थांनी वा समित्यांनी तोमाझिन्यु कार्दोजान आपलें मोलादीक योगदान दिलें *(Kolakarak Bhett*, Tiatr Academy Goa).

## 2.9 तोमाझिन्यु कार्दोज हांची विचारसरणी

तोमाझिन्यु कार्दोज हे एक विचारवंत. तांणी आपले वेग वेगळे विचार दिसाळ्यांचेर आनी नेमाळ्यांचेर स्पश्ट केल्ले आसात. हे तरेची तांणी केल्ली बरपावळ पुस्तक (निबंद) रुपान प्रकाशीत जाल्या. ह्या पुस्तकांचेर आदारीत तांचे विचार सकयल नोंद केल्यात.

### 2.9.1 शिक्षण क्षेत्र

शिक्षण हें अशें शस्त्र जे वरवीं वेगवेगळ्या विशयांचेर अध्यापन करून विद्या विस्तारपा वांगडाच प्राविण्य विकसीत करूं येता. दर एके व्यक्ती खातीर तें एक मोलादीक धन. शिक्षणाचो उणाव कोणाय मनशाचेरच न्हय तर ताच्या कुटुंबाचेर, ताचे भोंवतणच्या समाजाचेर आनी पुराय राष्ट्राचेर लेगीत प्रभाव घालता. शिक्षण आतां कशें आसा (तांणी लेख बरयिल्ल्या वेळार) आनी तें कशें आसचें हाचेर तोमाझिन्यु कार्दोजान आपले विचार मांडल्यात.

आमचे शिक्षणीक वेवस्थेचें पयलेंच पावल चुकीचें आसा अशें तोमाझिन्यु कार्दोज मानतात. भुरग्यांक पांच वर्सां पुराय जावचे पयलींच तांकां बालबागांनी भरती करप जाता, जंय तीं जायतें शिकतात आनी तांकां घरपाठ लेगीत करचे पडटात. भुरग्यां खातीर ही शिक्षणीक वेवस्था सुखदिणी करपा विशीं कांयच प्रयत्न जावंक नात हाची खंत ते उकतायतात. हे खतीर अध्यापन-अध्ययन प्रक्रिया भुरग्यांक उबगण आनी कोडू अणभव दिवपी थारल्या. आमची अध्यापन-आध्ययन प्रक्रिया पुरायपणीं काळा भायली जाल्या. (Cardozo, Polloilam Tem Boroilam 4-5) “शिक्षणीक वेवस्थेची पुनर्बांदणी सरकाराचेर अवलंबून आसा. जातूंत पुराय अभ्यासक्रमाची पुनर्घडण करप आसपावता आनी भुरग्यांच्या मानसीक, शारिरीक, भावनीक आनी आत्मीक वाडीचेर समान भर घलपाची तांक ताच्यांत आसपाक जाय.” (Cardozo, As I See It 22)

कांय वर्सां फाटीं शिक्षणीक माध्यमांत जाल्ल्या नियमीत बदलांक ते ‘निर्दयी प्रयोग’ आनी ‘भुरग्यांचेर एक व्हड वजें’ म्हणून पळयतात. ही शिक्षणीक वेवस्था अशी आसा जंय भुरग्यांच्या शरिराचेर पुस्तकांचो भार घालप जाता. तांचेर शिक्षणाचो तशेंच परिक्षेचो गंभीर ताण पडिल्ल्यान खेळांत वेळ सारपाक तांकां चुकून संद मेळटा आनी हे परिस्थितीन तांचें सुखी भुरगेंपण नश्ट केलां. ‘विद्यालयांनी वचपी भुरग्यांचेर हो एक निश्ठूर अन्याय.’ (Cardozo, As I See It 4) ‘कृत्यांतल्यान अध्ययन’ (learning-by-doing) हाचें समर्थन तोमाझिन्यु कार्दोज करतात, जे वरवीं अध्यापन-अध्ययन प्रक्रिया अदीक जिवाळ करूं येता. तेच तरेन सर्ती, चर्चा, नाट्यमय मळार वावर, आदी सारक्या अभ्यासक्रमा भायल्या कार्यांच्या माध्यमांतल्यान शिक्षण दिवप गरजेचें. जातूंतल्यान ह्या सगळ्यांचो आनंद घेवपा वांगडाच, आपले भितरली अदर्शीत कुशळटाय सोदून काडपाची संद तांकां फावो जातली (Cardozo, As I See It 3-5).

विद्यापिठाचे पदवीधर, बुदवंत, दोतोर, अभियंते आनी हेर जाणकार गोंयांत तयार जातात मात, ‘आमची शिक्षणीक वेवस्था एक बरो मनीस घडोवपाक पुरायपणान असक्षम उरल्या’ अशें तांकां दिसता. तशेंच आयज दिसपी समाजीक समस्या आनी समाजा आड कृत्यांची वाड हो प्रस्न फकत बरो मनीस घडोवपाक असमर्थ आशिल्ल्या विद्यालयांक लागून उप्रासला. देखुनूच आमची शिक्षणीक वेवस्था पुरायपणीं दुबळी सिध्द जाल्या कारण विद्यार्थ्यां भितर बरें चरित्र रुजवणाक घालपाक ती सक्षम उरूक ना. तांच्या मतान संस्थांनी चलपी मुल्यांशिक्षणाचे (value education) वर्ग चरित्र घडोवपांत व्हड शस्त्र सिध्द जावं येतात. ‘‘बऱ्या सभावाचें धनीपण आसले बगर कोणूय व्यक्ती बरो नागरीक जावंक पावना. हाकाच लागून विद्यालयांनी मुल्यांशिक्षणाक म्हत्व दिवन ताच्या अध्यापनाचेर अदीक भर दिवपाची ताबडतोड गरज आसा’’ (Cardozo, As I See It 7). ते भायर विद्यार्थ्यांक बुद्दीन निपूण करचे करून तांचे भितर जिवन मुल्यां रोवपूय भोव म्हत्वाचें आसा नाजाल्यार भुरग्यांक शिक्षण दिवपाचो मूळ उद्देशूच फळाक येवचो ना अशें ते सांगतात. ते खातीर सरकारान ह्या मुद्द्याचेर गंभीरपणान विचार करून जाता तितले बेगीन उपाय काडपाची गरज आसा. तेच तरेन जर शिक्षणा वरवीं निरुद्देगीपण ना-नपश्यात करूंक आनी भुरग्यां भितर मनीसपणाचीं बियां रुजवणाक घालूंक आमी सक्षम जाले जाल्यारूच तांकां दिल्लें शिक्षण पुर्णत्वाक पावलें म्हणपांत मात्तूय दुबाव आसचो ना अशेंय हे शिक्षक स्पश्ट करतात.

विद्यालयांक विद्यार्थी-शिक्षक, सुविधा आदींचे संख्ये संबंदान जायत्या त्रासांक फुडो करचो पडटा, आनी हाचो अध्यापन-अध्ययन प्रक्रियेचेर कशे तरेन प्रभाव पडूं येता हाची जाण तोमाझिन्यु  कार्दोज हांकां बेस बरी आसा. नोकरशायेचे (bureaucracy) सत्ते खाला शिक्षण विभाग आसपाक जाय आनी तांच्या कार्यांत मनशाची दखल आसपाक जाय असो विचार ते मांडटात. विद्यार्थ्यांक गुणात्मक शिक्षण दिवपाक ह्या संस्थांनी

मेळून आनी सहकारान वावुरपाची गरज आसा. 2006 वर्सा, शिक्षण विभागाचें विकेंद्रीकरण (decentralisation) करपी, तेन्नाचे शिक्षण मंत्री लुइझिन्यु फालेरुचे घोशणेक तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी येवकार दिल्लो. शिक्षण विभागाक हेर सरकारी विभागा वरीच लेखप जाता म्हणपाचें ते स्पश्ट करतात. शिक्षणा वरवीं भुरग्यांच्या व्यक्तिमत्वाक आकार प्राप्त जाल्ल्यान आनी तातूंतल्यानूच बरे नागरीक घडून आयिल्ल्यान हो विभाग प्रामाणीक अधिकाऱ्यांनी चलोवपाची गरज आसा, जांचे भितर हें नाजूक काम सांबाळपाची प्रतिभा आसूंक जाय. तोमाझिन्यु कार्दोज धिटायेन सांगतात, "ह्याच कारणाक लागून शिक्षण क्षेत्रांत नेमणूक पुर्णपणान पात्रतायेच्या आदाराचेर जावंक जाय आनी असल्या कार्यांत राजकी विभागाचो वांटो अजिबात आसूंक जायना" (Cardozo, My Journey 7-12).

ते भायर शिक्षणा संबंदान निर्णय घेतना 'अधिकाऱ्यांनी हुतहुतेंपण करूंक जायना', अशेंय तांकां दिसता, 'कारण शिक्षण हो एक नाजूक विशय जाका नाजूक उपचाराची गरज आसता.' 'जर आमी शिक्षणाक आमच्या जिवितांत इतलें म्हत्वाचें मानतात, जाल्यार जायत्या फावटीं ह्या क्षेत्रांत वावुरपी शिक्षण अधिकारी आनी निर्णय करपी गट शिक्षण विस्तारपी प्रशासनाक कित्याक हलकेपणान घेतात हें समजुपाक म्हाका कठीण जाता.' हो मुद्दो स्पश्ट करपाक तोमाझिन्यु कार्दोज माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षणाच्या गोवा बोर्डान घेतिल्ल्या निर्णयांचेर उजवाड घालता, जंय 2006 वर्सा एन्. सी. आर्. टी. पाठ्यक्रम लागू जालो पूण विद्यार्थ्यांक आनी शिक्षकांक वेळार पाठ्यपुस्तकां आनी फावो त्यो वस्तू दिवपाक बोर्ड असक्षम उरलो. हेच परी गणीत ह्या विशयाचे, उच्च गणीत आनी सकयलें गणीत अशे दोन पांवडे करपी बोर्डाच्या निर्णयाचेरूय टिका ते करतात. ह्या निर्णयाक, जाणें शिक्षक, विद्यार्थी आनी पालक हांचे मदीं पुराय घुसपागोंदळ आनी तणाव निर्माण केलो, तो उपरांत काडून वडयलो. एकाच

वेळार सगळयां विद्यालयांनी ग्रेडींग वेवस्था लागू करपा आड  कार्दोज आसले. हे येवजणेक एक मार्गदर्शन करपी प्रकल्प (pilot project) म्हणून कांय वेंचीक विद्यालयांनी लागू करपाचो प्रस्ताव कार्दोज दवरतात, जे वरवीं तो गोंयच्या सगळयां विद्यालयांनी लागू करचे पयलीं ताचो फायदो आनी लुकसाण कळून येतलीं. ही येवजण 2005-06 वर्सा बोर्डान चालीक लायली पूण वर्सुक्या काळांत साबार वेळा ती रुपांतरीत आनी पुनर्रुपांतरीत केल्ल्यान घुसपागोंदळ निर्माण जालो (Cardozo,  My Journey 19-21).

एकविसाव्या शेंकड्यांत, विज्ञानाचें आनी संगणक शिक्षणाचें म्हत्व कार्दोज हांकां कळून आयलें. शिक्षक आनी पालकांनी विद्यार्थ्यां भितर एक विज्ञानीक वृत्ती (scientific temperament) निर्माण करपा वांगडाच तांचे भितर ह्या विशया विशीं मोग निर्माण करपाक जाय, अशें ते मानतात. विज्ञानाचें अध्यापन विद्यार्थ्यां खातीर आनंदी आसपाक जाय आनी प्रयोगशाळेंत प्रयोग करपाक तशेंच विज्ञानीक उपकरण सांबाळपाक विद्यार्थ्यांक स्वातंत्र्य आसपाक जाय. संगणक आमच्या जिविताचो एक अविभाज्य घटक आशिल्ल्यान ताचेर आमचें अवलंबन वाडत आसा. सगळयाच क्षेत्रांनी संगणक वापरतात, आनी आयच्या जलद गतीन बदलपी संवसारा समांतर रावपाक दर एका विद्यार्थ्यान संगणक शिक्षीत आसपाची गरज तांकां खबर आसा. विद्यालयांनी संगणक शिक्षण लागू करपाच्या प्रयत्नाची तोखणाय करतनाच संगणक विश्वांत आमी खूब फाटीं आसपाच्या मुद्द्याचेरूय ते उजवाड घालपाक विसरनात. पूण उपरांत उप्रासपी संगणक शिक्षकांच्या अडचणींक, विद्यार्थ्यांच्यो अभिरुची मतींत दवरून प्रभावीपणान सोडोवपाक जाय तशेंच कराराच्या आदाराचेर (contract basis) नेमणूक केल्ल्या शिक्षकांक कमी पगार दिवन, तांचेर अन्याय करपा वांगडाच शिक्षीत बेकारांचें शोशण

जाता. हे बराबर अध्यापनाचेर प्रतिकुलतायेचेर प्रभाव पडटा. संगणक शिक्षणांत चड भांडवल घालपाची गरज आसा अशें तांकां दिसता (Cardozo, My Journey 4-6).

विद्यालयांनी कार्यशिक्षणाच्या (work education) प्रस्नाचेर, ‘ह्या विशया कडेन अजून मेरेन गंभीरपणान पळोवप जावंक ना’ अशेंय ते तटस्थपणान म्हणटात. हो विशय शिकपांत दुबळे आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक फायद्याचो जावं येता. तांकां नियमीत विशय शिकप कठीण लागता. हे वरवीं विभिन्न वेवसायां विशीं तांचें ज्ञान वाडटा, जें फुडाराक तांकां लाभदायक आसा. पूण हो विशय हाताळपी बुदवंत शिक्षकांच्या उणावाक लागून हेर उपक्रमा भाशेनूच हो विशय शिकोवप जाता आनी विद्यार्थ्यांक ताचो फायदो जायना (Cardozo, As I See It 29).

साक्षरताय प्रमाणाचो (literacy rate) हुसको उकतावन गोंयचें साक्षरताय प्रमाण चड आसपाक जाय म्हणपाचें तें सांगतात आनी गोंयाक 100% साक्षर करपाची मोख आसप म्हत्वाचें. गोंय हें प्रमाण गांठपाक सक्षम आसा, मात गोंयांत भायल्यान जाता त्या स्थलांतरणाक लागून (influx of migrant force) राज्याच्या साक्षरताय प्रमाणाचेर वायट परिणाम जाता. स्थलांतरीत कामगार वर्ग विद्यालयांनी आपल्या भुरग्यांची नांवनोंदणी करिना देखून साक्षरताय प्रमाण सकयल वचपाचें हें एक कारण जालां. राज्याचें साक्षरताय प्रमाण सुदारपा खातीर कार्दोज कांय उपाय सुचयतात. “सरकाराक राज्यांत प्राथमीक शिक्षणाचो दर्जो सुदारचो पडटलो. गांवांनी प्राथमीक विद्यालयांची संख्या चड आसली. कांय सरकारी प्राथमीक विद्यालयांनी विद्यार्थांचे कमी संख्येक लागून पुराय वर्ग आनी पुराय विशय शिकोवपा खातीर फकत एक वा दोनूच शिक्षकांची नेमणूक करप जाता.” प्राथमीक विद्यालयांनी शिक्षकांचे संख्येचें गणीत करपाचे पद्दतीक कार्दोज चुकीची म्हणटात आनी शिक्षण अधिकाऱ्यांनी प्राथमीक विद्यालयांच्या विद्यार्थ्यांचेर पुराय अन्याय केला हेंय स्पश्ट करतात. हाचेर

एकूच उपाय म्हणल्यार सगळ्या विद्यालयांचें विलिनीकरण करून फकत एक विद्यालय गांवच्या केंद्रीय स्थळार आसचें अशे ते सुचयतात (Cardozo, My Journey 7-9).

भुरग्यांची शिक्षणीक नदरेन उदरगत जावपाक शिक्षणाचें मुळावण मुळाव्या पांवड्यार अदीक घट आसप म्हत्वाचें कारण हो भुरग्यांक घडोवपाचो काळ आसता अशें ते मानतात. देखून शिक्षक दिसा निमतान फुलांच्या शिंवरान शिक्षकांचो सत्कार करचे परस दर एका शिक्षणीक पांवड्यार फावो तितले शिक्षक उपलब्ध करून दिवपांत खरेपणीं शिक्षक दीस मनोवप योग्य आनी लायक थारतलें, अशें मत कार्दोज व्यक्त करतात. कारण पयली ते चवथी हो काळ एक नाजूक काळ आसता जातूंत शिक्षक भुरग्यांक शिक्षणा बराबरच तांचे भितर बऱ्या मुल्यांचो, बरे शिस्तीचो समावेश करून तांच्या फुडाराचे दिशेची बुन्याद घालता. आनी जायत्या फावटीं शिक्षणीक मळार ह्या काळाचेर दुर्लक्ष करप जाता आनी ह्या वर्गांक फावो तितल्या शिक्षकांची पुरवण करूंक नाशिल्ल्यान वर्ग चलोवपी शिक्षकाक विसव घेवप कठीण जाता. आनी असले हे परिस्थितींत ताकतिकेन शिकिल्ल्यान भुरग्यांचेर नकारात्मक परिणाम पडटा.

इतलेंच न्हय, जाल्यार उंचल्या वर्गांनी प्रयोगशाळे खातीर सहाय्यक दिवप, वैकल्पिक (optional) विशयाक लेगीत मुखेल विशयां सारकेंच म्हत्व दिवन हो विशय शिकोवपाक लेगीत प्रशिक्षीत अध्यापक नियुक्त करप, आनी मुल्यांशिक्षण ह्या विशयाक तितलेंच म्हत्व दिवप गरजेचें आसा. आनी अशें जाल्यारूच शिक्षक दीस मनोवप अर्थपूर्ण थारतलें (Cardozo, Mhoje Goy… Mhoje Vichear… 5-8).

परिक्षा नासतना शिक्षण फुडें व्हरप हे येवजणेचेर भासाभास करतना कार्दोज तिका पुराय विरोध उकतायतात आनी हाचे फाटलीं कारणांय ते स्पश्ट करतात. तांणी केल्ल्या निरिक्षणा प्रमाण ही येवजण चालीक लावपाक आमच्या शिक्षणाची परिस्थिती अदीक

सुदारची पडटली. तशेंच परिक्षा रद्द करप म्हणल्यार दीसपट्ट्या आदाराचेर भुरग्यांचें मुल्यमापन करप आनी ही मोलावणी फळादीक जातली जाल्यार वर्गांत विद्यार्थ्यांची संख्या भोव उणी आसची पडटली. तेच तरेन दीसपट्टी मोलावणी करपाक शिक्षकांच्या भुजार हेर कसलीच जबाबदारी घालपाचो प्रस्न निखालूस उप्रासना. अशें केल्यारूच ही येवजण सफळ जावंक पावतली नाजाल्यार शिक्षणीक पांवड्यार अदीक घुस्पागोंदळ निर्माण जातलो अशें कार्दोज स्पश्ट करतात (Cardozo, Mhoje Goy… Mhoje Vichear… 9-12).

ए.टी.के.टी. मेळिल्ल्या विद्यार्थ्यांक मुखार प्रवेश करूंक दिल्यार कसली परिस्थिती निर्माण जातली हे विशीं चर्चा करतना कार्दोज हांचो हुसको दिसता. गोंयांत 90% लोक शिक्षीत आसात. देखून असले हे परिस्थितींत ए.टी.के.टी. मेळयिल्ल्या विद्यार्थ्यांक बेठेंच फुडें व्हरचे बदला निकालांत असमाधानकारक आशिल्ल्या विशयांनी तांची प्रगती करपाक वर्सभर उपाय घेवप लाभदायक जातलें. पूण शिक्षणांत सुदारणा हाडचे बदला आमी विद्यार्थ्यांक कशेय तरेन फुडें धुकलपाक नाका आशिल्ले उपाय काडूंक लागल्यात. हाका लागून चड विद्यार्थी मुखार पावतातूच पूण शिक्षणाचो दर्जो देंवत वता हाचें दुख्ख कार्दोज व्यक्त करतात (Cardozo, Mhoje Goy… Mhoje Vichear… 17-19).

कार्दोज कोंकणी भाशेचें समर्थन करतात, पूण जेन्ना कोंकणींत प्राथमीक शिक्षण हो प्रस्न येता तेन्ना ते म्हणटात, ‘खंयच्याच पालकाक आपल्या भुरग्यान प्राथमीक शिक्षण कोंकणींत घेतिल्लें नाका. चडांत चड पालक जे आपल्या भुरग्यांक मुळाव्या कोंकणी शाळांनी धाडटात तांकां तें कठीण लागता कारण कोंकणी देवनागरी लिपयेंत शिकोवप जाता आनी पाठ्यपुस्तकांत वापरिल्ली बोली तांकां आवडना.’ पालकांक आपल्या भुरग्यांक मुळाव्या इंग्लीश शाळांनी धाडपाक जाय हाची जाण तोमाझिन्यु हांकां आसा,

कारण, शिक्षण आत्मसात केले उपरांत तांकां नोकरी मेळोवपा खातीर ताची गरज आसता. भाशेचें समर्थन करपा खातीर तिच्या माध्यमांतल्यान शिक्षण घेवप कोणाकूच आवडचें ना. हाचे उरफाटें, जे भाशेंत कोणूय शिक्षण घेता ते भाशेन ताका सभ्य जिवीत जगपा खातीर आदार दिवंक जाय (Cardozo, Polloilam Tem Boroilam-2, 9-12).

## 2.9.2 समाजीक परिस्थिती

तोमाझिन्यु कार्दोज हांचे विचार समाजांत सुदारप हाडपाचेर आदारीत आशिल्ल्यान समाजांत जी अनीत चलता तिचे आड ते वावुरतात जाल्यार समाजांत बरें आसा ताची देख ते सदांच नदरे मुखार दवरतात.

आयज आमचे जिणेंत आधुनीक सवलतींच्या आगमनान पर्यावरणाची नाशाडी जाता. उदरगतीच्या नांवान मनीस आपलेच मांयभुयेक नश्ट करता जातूंत मनीस जातीचोय शेवट अप्रत्यक्ष लिपला. ही परिस्थिती फकत आमच्या मुल्यहीण जिविताक लागून उप्रासल्या. जाका लागून कुटुंबीक तशेंच समाजीक नात्यांचेरूय वायट परिणाम जाता. देखून ही स्थिती सुदारपाक धर्मीक मुल्यांची गरज आसा. कारण ह्या मुल्यांक आमचें जिवीत निवळ दिकेन व्हरपाची तांक आसता.

बायलांनी नोकरी करप वा ना हे विशीं मत उकतायतना कार्दोज म्हणटात, हो प्रस्न बायलांचेरूच सोडिल्लो चड बरो कारण तांकांच आपल्या संवसारा खातीर कितें योग्य आसा हाची बेस बरी जाणविकाय आसता. इतलेंच न्हय, आयच्या समाजांत अस्तुरेक दादल्या परीच समानताय आनी अर्थीक स्वतंत्रताय जाय आनी ह्या संदर्भांत विरोध करप बरोबर न्हय, कारण, हो आयचे अस्तुरेचो हक्क. तेच तरेन आयच्या तरणाट्यांचेर गांधीजीच्या तत्वांचो उजवाड घालपाक जाय.

कार्दोज हांकां आपले मांयभाशे विशीं उपाट मोग आनी अभिमान आसा देखुनूच गोंयचे चळवळींत तांणी सक्रीय वांटो घेतलो. कोंकणी आमची अस्मिताय, ती आमची वळख. पूण आयचो तरणाटो आधुनीकतायेच्या रुपड्या आड कोंकणी भाशेक परत एकदां किर्कोत करपाक लागला ही लजेची गजाल जाल्या. देखून भास सांबाळून दवरपाक बेगोबेग उपाय काडपाची गरज आसा. ते भायर, सरकारी मळार चलपी भ्रश्टाचाराक नियंत्रीत करपाक एक फळादीक उपाय म्हणल्यार नागरिकांचें मत.

इतलेंच न्हय, गोंयचें लुकसाण करपी अशे साबार समाजीक मुद्दे आसात आनी ह्या सगळ्या समाजीक त्रासांचो नियाळ करून कार्दोज आपले लिखणेंतल्यान तशेंच आपल्या तियात्रांतल्यान समाजीक जागृताय हाडपाचो यत्न करतात.

कार्दोज हांकां कुटुंब हें चड म्हत्वाचें दिसता. कुटुंब ही संस्था आमच्या समाजाची बुन्याद आशिल्ली जी आयज वेगवेगळ्या बाह्य तणावांक लागून मोडपाक लागल्या. समाजाक योग्य दिकेन उदरगत करपाक जाय, जाल्यार कुटुंबाची योग्य रितीन वाड म्हत्वाची. पूण आयज आपल्या भुरग्यां खातीर पालकां कडेन वेळ ना कारण सभ्य जिवीत मेळोवपाक दोगांय नोकरी करून धडपडटात म्हणपाचें ते स्पश्ट करतात. रासवळ कुटुंबां (joint families) मोडून पडल्यात. आनी हाचो खर प्रभाव ल्हान कुटुंब करून रावपी जोडप्याच्या भुरग्यांचेर पडटा. भुरगीं न्हिदेंत आसतना पालक नोकरेक वतात आनी उपरांत भुरगीं न्हिदपाक वचपाच्या वेळार घरा परततात. आया पालकांची भुमिका करता. खूब थकिल्ल्या कारणान आपल्या भुरग्यां सांगातान वेळ सारपाक पावनाशिल्ल्यान, वस्तूभेट दिवन उणावाची भरपाय करपाचो प्रयत्न पालक करतात. दीसभर करपाचे नोकरेन आयच्या आवय-बापायक तात्पुरत्या पालकां भितर परिवर्तीत केलां. पालकांची सुवात हेर कोणेंच घेवंक जायना आनी तांचे भितरलें मोगाचें बंधन घट

करपाक पालकांनी भुरग्यां बरोबर वेळ सारपाची गरज आसा अशें ते सुचयतात (Cardozo, As I See It 136-138).

खुबशा वेळार पालकां आनी वडिलां कडल्यान, 'भुरगीं शिस्तीन वागनात' अशें आयकूंक मेळटा. कांय भुरगीं हिंसकपणान लेगीत वागतात. तांचें म्हणणें, कांय काळा पयलींचीं भुरगीं बरीं वागतालीं कारण तीं वडिलांक मान दिवपा बराबरच समाजीक नेमांचें पालन करतालीं. पूण आयज, तरणाटी पिळगी चड आक्रमक आनी हट्टी जाल्या, तरी लेगीत आपल्या हक्का विशीं ती जागृत आसा अशें ते म्हणटात. आपल्या भुरग्यांच्यो सगळयो मागण्यो मान्य करपी पालक, एकेच पिरायेंत आशिल्ले वांगडी, तशेंच चलचित्रां जांचो सकारात्मक तेच तरेन नकारात्मक परिणाम भुरग्यांचेर पडटा, हे सारकीं कारणां तांच्या वागपांत बदल घडयतात. पालकांचे जतनाये खाला भुरग्यांचे वागणुकेक आकार आनी वाड प्राप्त जाता. तांचे वागणुकेचें निरिक्षण करून भुरगीं तांचे भितरले गूण आत्मसात करतात. पारंपारीक मुल्यांचो उणाव, समाजाचे वाडींत बाधा घालपी हो आनीक एक घटक जावन आसा. एकाद्रे व्यक्ती भितर कुटुंबीक संस्कृताय आनी परंपरेच्या माध्यमांतल्यान घातिल्ल्या मुल्यांचो निकाल म्हणल्यार तिचें चरित्र. भुरग्यां भितर मुल्यां कुटुंबांत रुजवणाक घालपाक जाय. कुटुंबांतले पालक आनी वडील आपलीं मुल्यां आपल्या भुरग्यां भितर रुजयतात आनी ही प्रक्रिया शिक्षणीक संस्था मुखार चालू दवरतात. देखुनूच, कुटुंबांतले जाणटेले, शिक्षणीक संस्थांतले शिक्षक आनी समाजीक आनी धर्मीक फुडारी, तरणाट्या भुरग्यां खातीर आदर्श-मुर्ती (role model) म्हणून वावुरतात (Cardozo, As I See It 164-166).

कार्दोज बरयतात, "फाटल्यां वर्सांतलें समाजीक जिवीत सदगुणी आशिल्लें कारण त्या काळांतल्या जगपांत, वाड्यार रावपी थळाव्यां मजगतीं आपलेपणाचो आसपाव आशिल्लो. वाठारांत राबितो करपी सगळे जाण एकामेकाक वळखताले. कारण पुराय

समुदाय एका घराब्या वरी वागतालो आनी समुदायांतले वांगडी फकत एकामेकांक समजून घेताले अशें न्हय, तर ते दयेस्त आनी भावनिकूय आसले" (Cardozo, As I See It 165). जेन्ना सावन लोक फ्लॅटांनी राबितो करपाक लागले तेन्ना सावन सामुदायीक जिविताचो हो सकारात्मक गूण शेणत गेलो. "आयज आमचो समाज धनी-निर्धनी भेदा मदीं विभागला" (Cardozo, As I See It 174). हे परिस्थिती खातीर बेरोजगारी, गरिबी आनी जाती-भेद जबाबदार आसात, हाची खंत कार्दोज व्यक्त करतात. "धर्मीक अतिरेकवादान (religious fanaticism) आमचें जिवीत, खास करून जे अल्पसंख्य समुदायाचे आसात तांचें जिवीत, असुरक्षीत केलां" (Cardozo, As I See It 165). गोंयचो समाज भोव वेगान बदल्ला. गोंयच्या जिवितांत आसपाविल्ल्या सगळ्यां बदलांत वेगवेगळे घटक आपलें योगदान दितात. आमची संस्कृताय, आमची जीवन पद्दत, आमचीं मुल्यां, आमची भास, आमची धर्मा संबंदीं वागणूक हांचे भितर पयलींच व्हड बदल जाल्यात. बदल अनिवार्य आनी अपेक्षीत आसात, पूण जे गतीन तो गोंयांत घडटात ताची गंभीरताय कार्दोज हांचे नदरे आड जावंक ना.

"फाटल्या कांय वर्सां भितर आमचे जीवन पद्दतींत तशेंच आमच्या समाजांत जायते बदल घडल्यात. सगळीं क्षेत्रां उदरगतीक पावल्यांत. रस्ते, वीज, उदक, येरादारी, शिक्षण, सारक्यां सुविधांनी असामान्य सुदारप दाखयलां, जें योग्य दिकेन एक पावल आसा अशें आमी सगळीं मानतात. ह्याच वेळार उदरगतीच्या नांवान सैमाची नाशाडी करपाचे करणेन आमचे संस्कृतायेच्या अस्तित्वाक त्रासांत घातलां" (Cardozo, As I See It 16). "आमचें वातावरण बदलून, तांत्रीक विद्या आमच्या समाजांत बदल घडयता जिचे कडेन वळून आमीय बदलाक स्विकारतात. जेन्ना वातावरण बदलता तेन्ना ताचे प्रमाण आमी बदलपाचो यत्न करतात. आनी अशें करतना चडशा वेळार

आमी आमची परंपरा आनी संस्कृताय लेगीत बदलून उडयतात" (Cardozo, As I See It 187). असो हुसको कार्दोज उकतायतात. "पूण दुर्दैवान गोंयची परंपरा आनी वळख हांच्या हुसक्या विरयत गोंयच्या समाजांत बदल घडटात" (Cardozo, As I See It 189).

गोंयची वळख, गोंयचे लोकसंख्येच्या बदलांक लागून विस्कटून वचपाचे प्रक्रियेंत आसा. "गोंयांत हेर राज्यांतल्या लोकांचें स्थलांतर अनियंत्रीत जालां" (Cardozo, As I See It 103). गोंया भायले लोक गोंयचेर आपलो शेक गाजयतात ही कागाळ जायत्या फावटीं गोंयकारां कडल्यान आयकुपाक मेळटा. स्वतंत्रताये उपरांत शिक्षणाच्या प्रसारान, गल्फ आनी हेर देशांनी स्थलांतरीत जावन लोकांक नोकरी सोदपाक प्रवृत्त केलें अशें ते म्हणटात. ह्याच काळांत गोंयच्या तरणाट्यान आपल्या पारंपारीक वेवसाया कडेन फाट करून धवाडी नोकरी (white-collar job) सोदपाक सुरवात केली. गोंयकार शेती, थवयकाम, बेकरी, नुस्तेमारी, बांदकाम हे सारक्या वेवसायांनी वस्ताद आशिल्ले पूण आयज ह्या वेवसायांक हाताळपाक ते फाटीं सरतात, ह्याय मुद्द्याचेर ते प्रकाश घालतात. गोंयकारांनी हे वेवसाय सोडून दितकूच शेजारच्या राज्यांतल्या लोकांनी गोंयांत गरज आशिल्ल्या कामगारांची पुरवण करपाक सुरवात केली. "गोंयकारांच्या ह्या न्हयकाराक लागून, बांदकामांत भरभराट येतकच हेर राज्यांतल्या कामगारांक गोंयांत हाडप जालें. मजूर वर्गाक आयात करपाची ही पद्दत अजून लेगीत चालू आसा" (Cardozo, As I See It 133). 2006 वर्सा हे स्थितीचें निरिक्षण केल्ल्यान, 'भविश्यांत असलीं कामां (odd jobs) करपी मनशांची मागणी वाडटली आनी गोंयकारांचे गरजे खातीर स्थलांतरीत जाल्याचो प्रवाह चालूच उरतलो, असो अदमास ते काडटात. तशेंच, राजकी फुडाऱ्यांच्या मत-गठ्ठ्यांक बळिश्ट केल्ल्यान तांकां एक घट फाटबळ आसा असोय निश्कर्श ते काडटात.

शिक्षणाच्या प्रसारान अस्तुरेच्या दर्ज्यांत एक व्हड सुदारप हाडलां आनी तें मुखेलपणान शारी वाठारांत दिसता. शिक्षणान अस्तुरेक बळ दिलां. आपल्या व्यक्तिमत्वाची उदरगत करपा खातीर स्वतंत्रतायेन विचार करपा खातीर आनी आपली कारकीर्द तशेंच आपलो सांगाती वेंचून काडपा खातीर तांचे कडेन संद आसा. "वेगवेगळया क्षेत्रांनी दादल्या कडेन स्पर्धा करपाक शिक्षणान अस्तुरेक तयार केल्या" (Cardozo, As I See It 162). पूण अस्तुरेचे शारी वाठारांतले स्थिती परस गांवगिऱ्या वाठारांतले अस्तुरेची स्थिती खूब वेगळी आसा. "गांवांतले अस्तुरेक शारी अस्तुरे समान दर्जो प्राप्त जातकूच, भारतीय अस्तुरेक बळिश्ट करपाच्या मार्गार आमी आसतले" (Cardozo, As I See It 161). प्रशासकी अधिकाऱ्यांनी गांवगिऱ्या वाठारांतले अस्तुरेक शिक्षीत करपाक प्रयत्न करपाक जाय अशेंय तांकां दिसता: "अस्तुरेक शिक्षीत करप म्हणल्यार भविश्यांतले शिक्षीत पिळगेची एक घट बुन्याद घालप" (Cardozo, As I See It 162).

### 2.9.3 राजकारण

कार्दोज हांचो राजकारणांत सक्रीय वांटो आशिल्लो. 5 पंचायत निवडणुकांनी आनी 2 राज्यसभा निवडणुकांनी ते उमेदवार आशिल्ले. विधानसभेचे वेंचणुकेंत जैतीवंत जावन गोंयचे विधानसभेचो सभापती म्हणून तांची वेंचणूक जाली. राजकारणांत पंचायत स्तरार 22 वर्सां आनी राज्य स्तरार 5 वर्सां तांचो वावर आसा.

1980 च्या निमण्या वर्सांनी स्वता राजकारणी पंचायतीच्या निवडणुकांनी मेतेर जातात हें तांकां कळून आयलें आनी हे स्थितीन गांवांनी दुस्मानकाय, दुराग्रह आनी हिंसक रितीचें वातावरण निर्माण केलें अशें तांचें मत.

राजकी पक्ष "जैत मेळोवपाचे क्षमतायेक", इत्सूक उमेदवारांक वेंचणुकेक उबो रावपाच्यो तिकेटी दिवपाचो निकश मानतात हाची खंत तांकां आसा. कांय उमेदवार कुडीचें बळ वापरून मतदारांक भेश्टायतात कांय जाण मतदान वळेरेंत बनावटी नांवां आसपावन फटींगपणां करतात आनी अस्तित्वांत नाशिल्ल्या मनशांचे दाखले लेगीत निर्माण करतात, जाल्यार कांय जाण वेंचणूक जिखपा खातीर दुडवांनी मतदारांक विकते घेतात हाचेर कार्दोज उजवाड घालतात. आयचे राजकी वेवस्थेंत आनी राजकी पक्षाचे विचारसरणेंत प्रामाणीकपण, निश्ठा, बी ह्या मुल्यांक सुवात ना अशें तांकां दिसता. बऱ्या चरित्राचे लोक वेंचणुकेंत भाग घेवपाक वा ती जिखपाक असक्षम आसतात म्हणपाचेंय ते विस्कटावन सांगतात. प्रामाणीक नागरिकाच्यान हे वेवस्थेचो भाग जावपाचें चिंतूंक लेगीत जमना अशें तांचें म्हणणें (Cardozo, As I See It 71).

"प्रामाणीकपणान निवडून काडिल्लो प्रतिनिधी आसप हें आयचे राजकी परिस्थितींत एक सपन जावन उरलां." तोमाझिन्यु बरयतात, "लोकशायेंत, लोकांक फावो तें सरकार मेळटा. देखून आपसुवार्थी आनी कपटी मतदार अश्या सरकाराक निवडून काडटले जाचें नियंत्रण एक आपसुवार्थी आनी कपटी फुडारीच करता. ह्या कारणान जे मेरेन मतदारांची मानसीकताय बदलना ते मेरेन आमचे प्रतिनिधी म्हणून वेंचून काडिल्ल्या लोकां भितर बदल घडून येवचे नात" (Cardozo, As I See It 78).

जेन्ना, उमेदवार प्रतिनिधी म्हणून वेंचून काडपाक योग्य नासतात आनी ह्या कारणाक लागून लोक मतदान करपाक उपयोगांत हाडपाक अनमनतात तेन्ना कार्दोज तांकां हो उपदेश दितात: "हो आमचो संविधानीक हक्क आनी आमी मत घालपाक जाय. हो नागरिकांचो हक्क जो वायट सरकारांत बरें रुजवणाक घालता. सरकारी मळार चलपी भ्रश्टाचाराक नियंत्रीत करपाक एक फळादीक उपाय म्हणल्यार नागरिकांचें मत. तेंच आमचें शस्त्र जें भ्रश्टाचारी फुडाऱ्यांक सत्तेर येवपा आड झुजता. बरे उमेदवार नासूं

येतात मात त्याच वेळार सगळे उमेदवार समान रितीन वायट आसूं येनात. उण्या भ्रश्टाचारी उमेदवाराक तुमी घाल्लें मत, एका चड भ्रश्टाचारी उमेदवाराक आडावपाक कारण जावं येता. अशें आसल्यार तुमी आनी लोकशाय वेवस्था कांय प्रमाणांत जैतीवंत थारतात" (Cardozo, As I See It 85).

तोमाझिन्यु हांच्या मतान राजकारणांत बायलांचो चड आसपाव आसपाक जाय. ते अस्तुरेचें समर्थन करतात. हे विशीं ते बरयतात, "सरकारी वेवस्थेच्या दर एका पांवड्यार निर्णय करपी प्रक्रियेंत अस्तुरेचो आसपाव केल्यारूच हें समर्थन जावं येता." विधानसभेंत तशेंच संसदेंत 33% जागे अस्तुरे खातीर आरक्षीत आसपाक जाय हे येवजणेक ते फाटबळ दितात. विधानसभेंत आनी संसदेंत अस्तुऱ्यांक 33% जागे दिवपाचें जें विधेयक कितलींशींच वर्सां पडून आसा ताका बेगिनूच मान्यताय मेळटली अशी अपेक्षा ते करतात.

लोकांक एका नितळ-निवळ आनी तांच्या हिताची पर्वा आशिल्ल्या सरकाराचो लाव जावंक जाय हें ते मानतात. हाका निश्ठावंत आनी प्रामाणीक फुडाऱ्यांची गरज आसा. कार्दोज निश्ठेक मोल दितात आनी दर एक फुडारी आपल्या पक्षा कडेन आनी लोकां कडेन निश्ठावान आसपाक जाय अशेंय ते सांगतात.

जेन्ना म्हत्वाचे निर्णय घेवपाक जाय तेन्ना ते म्हणटात, "गोंयच्या हिता खातीर राजकी निश्ठा पळयनासतना उत्तरेंतल्या आनी दक्षिणेंतल्या फुडाऱ्यांक एकठांय करून एक बरो उपाय काडूं येता." भ्रश्टाचारी फुडाऱ्यांक ख्यास्त दिवपाची गजाल ते मानून घेतात. (Cardozo, As I See It 53-110).

### 2.9.4 कला आनी संस्कृताय

गोंयांत कलेची आनी संस्कृतायेची उदरगत करपांत कार्दोज हांचो वांटो आसा. तांणी 40 तियात्रांचें लिखाण केलां. तांच्या संस्कृतीक संगीत पंगडान साबार खेपे मांडो उत्सवांत भाग घेवन जायत्या फावटीं मांडो पुरस्कार मेळयल्यात.

"फकत संगितांत, जगांतल्या खंयच्याय कोनशांतल्या बायलां आनी दादल्यांक एकठांय हाडपाची शक्त आसा" अशें ते मानतात (Cardozo, As I See It 27). इगर्जांनी संगीत शिकोवपाची परंपारीक चाल बंद केल्ल्यान चडश्या संगीत शिक्षकांक संगीत वाचपाक आनी बरोवपाक जमना. गोंयांत संगिताची योग्य जाण आशिल्ल्या शिक्षकांचो उणाव आसा म्हणपाचें ते सांगतात. दर एका विद्यालयांत दोन संगीत शिक्षकांची नेमणूक करून विद्यालयांत संगीत चालीक लावपाच्या सरकाराच्या प्रयत्नाची तोखणाय करतनाच एकाच विद्यालयांत भारतीय आनी अस्तंती ह्या दोनूय तरांच्या संगिताची शिकवण दिवपाच्या निर्णयाक ते सदगुणी मानिनात.

"गोंयांत समाजीक मेळ आसा मात संस्कृतीक मेळ ना" हो विचार ते मांडटात. कोंकणी नाटकांत दिसपी हिंदू प्रेक्षक आनी तियात्राक उर्बा दिवपी क्रिस्तांव प्रेक्षक हाचो एक बेस बरो पुरावो. गोंयांत कोंकणी सिनेमाची उदरगत जावंक ना कारण सगळ्यां समुदायां कडल्यान ताका फाटबळ मेळना, आनी हाका लागून "हिंदी सिनेमा कोंकणींत हाडपाचो एक प्रयोग करपाची गरज आसा जे वरवीं कोंकणी सिनेमाची वेवसायीक वाड जावप जमतलें" अशेंय मत ते मांडटात. गोंयांत जावपी  आंतरराष्ट्रीय चलचित्र महोत्सव (IFFI) कोंकणी सिनेमाक वाड दिवपाक आनी गोंयची सिनेमा संस्कृताय घटमूट करपाक फायद्याचो थारतलो. तशेंच गोंयच्या सिनेमा उद्देगाक सरकारान आदार दिवपा वांगडाच ताका फावो ती गतीय दिवपाक जाय. आनी हें करपा खातीर एक उपाय

म्हणल्यार, दर्जेवंत सामुग्री विकती हाडपाक गोंयच्या सिनेमा निर्मात्यांक हाडपाक कुस्तार जाल्ल्यान ती भाड्यान घेवप जाता. कोंकणी सिनेमाची निर्मणी करतना थळावे कुशळटायेची उदरगत करप, हेय गजालीचें कार्दोज समर्थन करतात.

सरकारान फावो केल्ल्या संस्कृतीक सुविधांनी, गोंयचे संस्कृतीक उदरगतीक जायती गती दिल्या अशें ते मानून घेतात. तरीय संस्कृतीक  कार्यांत राजकारणाचो वांटो अजिबात आसूंक जायना ह्या मुद्द्याचेर ते उजवाड घालतात.

2002 वर्सा जेन्ना गोंय सरकारान गोंयचें संस्कृतीक धोरण (Cultural Policy of Goa) प्रतिपादन करपा खातीर एके समितीची रचना केली तेन्ना ते समितींत  कार्दोज हांचोय आसपाव केलो. गोंयच्या ह्या धोरणांत आसपाव करपा खातीर तांणी साबार सुचोवण्यो तयार केल्यो जांची मोख गोंयचे संस्कृतायेचो सांबाळ आनी उदरगत करपाची आशिल्ली. जेन्ना सरकारान ह्या धोरणाक मान्यताय दिली तेन्ना तांच्या लागीं-लागीं सगळ्या सुचोवण्यांचो आसपाव गोंयच्या संस्कृतीक धोरणांत जालो.

गोंयांत प्रसारांत आसपी समाजीक मेळाचो खंयचेय परिस्थितींत सांबाळ, ताचें संरक्षण आनी ताची उदरगत जावपाक जाय आनी सगळ्यां समुदायांच्या लोकांचे संस्कृतीक कार्यांत योग्य प्रतिनिधित्व दिवन हें मेळोवं येता अशें कार्दोज  सुचयतात (Cardozo, As I See It 41-49).

## 2.10 पुरस्कार आनी भोवमान

तोमाझिन्यु कार्दोज  हांणी कोंकणी खातीर तशेंच गोंया पासत केल्ल्या मोलादीक वावराक तांकां जायते पुरस्कार तशेच भोवमान फावो जाल्यात. तांच्या योगदाना पासतूच न्हय तर तांच्यांत आशिल्ले कलेक, हुशारकायेक, बुदवंतकायेक लागून तांकां पुरस्कार लाबिल्ले आसात. शिक्षण, साहित्य, समाज, कला, संस्कृती, राजकारण,

पत्रकारिता, तियात्र, मांडो, सारक्या साबार क्षेत्रांनी समर्पणाचे भावनेन कार्दोज हांणी धडपड केल्या. आनी तांच्या ह्या वावराक समाजाचे नदरे मुखार हाडून तांची तोखणाय करपा खातीर वेग-वेगळ्यां संस्थांनी तांकां  पुरस्कार दिल्यात आनी सत्कार घडोवन हाडल्यात. कार्दोज हांणी मेळयल्ले सगळेच पुरस्कार तोखणायेचे आसात तातूंतले तीन मुखेल पुरस्कार तांकां गोंय सरकारान भेटयल्यात. ते म्हणल्यार, 1994 वर्साचो उत्कृश्ट सरपंच पुरस्कार, 2003 वर्साचो शिक्षणाचो राज्य पुरस्कार आनी 2009 वर्साचो राज्य साहित्यीक पुरस्कार. तांकां अजून मेरेन सुमार 20 संस्थां कडल्यान 28 पुरस्कार लाबल्यात, जातूंतले साहित्या खातीर 8, तियात्रा खातीर 4, मांड्या खातीर 4, क्रिडा, कला आनी संस्कृताये खातीर 2, सरपंच पदा खातीर 1, शिक्षणा खातीर 5, पत्रकारिते खातीर 2, कोंकणी चलचित्रा खातीर 1 आनी ह्या सगळ्या क्षेत्रांनी आपली छाप सोडिल्ल्यान  2011 वर्सा तांकां 'गोवन ऑफ ध इयर' होय पुरस्कार लाबलो.

ते भायर तांणी मेळयिल्ल्या येसाचो, साहित्यांत तांणी दिल्ल्या योगदानाचो, सभापतीच्या पदार निश्ठेन वावर केल्ल्याचो आनी हेर साबार क्षेत्रांनी तांणी हाडिल्ल्या सकारात्मक बदलांचो भोवमान करपा खातीर तांकां 52 संस्थां कडल्यान अजून मेरेन 78 सत्कार फावो जाल्यात.

संस्कृतीक, समाजीक आनी साहित्यीक वावरा खातीर तांकां गोंयांतूच न्हय जाल्यार गोंयां भायर लेगीत जायते पुरस्कार मेळ्ळयात. तशेंच भायल्या देशांत वचून लेगीत तांच्या वावरा आनी योगदाना पासत तांकां सन्मानीत केल्यात. ('तोमाझिन्यु कार्दोज हांकां फावो जाल्ले पुरस्कार आनी भोवमान' हें परिशिश्ट पळोवंचें)

## 2.11 निश्कर्श

शिक्षक, लेखक, कवी, निबंदकार, कथाकार, एकांकीकार, सरपंच, राजकरणी, भाशा भक्त, खेळगडी, पत्रकार, मांडो मोगी, तियात्रिस्त अशीं कार्दोज हांचीं अनेक रुपां आसात. 1964 ते 2021 वर्सा मेरेन कार्दोज हांणी तियात्राचीं 17 पुस्तकां उजवाडाक हाडल्यांत. ह्या पुस्तकांनी सगळे मेळून 21 तियात्र प्रकाशीत जाल्यात. आयज मेरेन कार्दोजा इतले पुस्तक रुपान तियात्र कोणेंच उजवाडाक हाडिल्ले नात. तांणी चडशे तियात्र कला अकादमीचे तियात्र सर्ती खातीर बरयल्यात. 2021 वर्सा मेरेन 46 तियात्र सर्तींतल्या 32 सर्तींनी तांणी भाग घेतला. कला अकादमीचे तियात्र सर्तीच्या इनामांची वळेरी ध्यानांत घेतली जाल्यार तांणी बरपावळी खातीर जितलीं इनामां जिखल्यांत तितलीं कोणेंच मेळयिल्लीं नात.

## प्रकरण 3

# समाज जीवन व्याख्या, अर्थ, स्वरूप, खाशेलपणां आनी घटक

### 3.1 प्रस्तावना

ह्या प्रकरणांत 'समाज आनी जीवन' ह्या दोन उतरांची फोडणिशी करतना व्याख्या आनी अर्थ हांची विस्कावणी करून वेगवेगळ्या जाणकारांचीं मतां अभ्यासल्यांत. समाज जीवनाच्या स्वरुपाचेर उजवाड घातला. मनीस समाजा पासून वेगळो आसना. समाजांत मनशाचो विकास जाता. मनीस एक सामाजीक प्राणी आशिल्ल्यान तो समाजांत मेळून-मिसळून जिवीत जगता. हें मनांत बाळगून मनीस समाजाचो केंद्रबिंदू म्हणपाचें जाणून घेतलां. समाज जीवनाक आपलीं खाशेलेपणां आसात; तांचेर लक्ष केंद्रीत केलां. समाज जीवनाक आपले खाशेले घटक आसात तें ध्यानांत घेवन शेवटाक समाजीक, राजकी, अर्थीक, धर्मीक आनी संस्कृतीक ह्या समाज जीवनाच्या खाशेल्या घटकांचेर उजवाड घाला.

### 3.2 समाज: व्याख्या आनी अर्थ

'तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन' असो प्रस्तूत प्रबंधाचो विशय आसा. ह्या विशया प्रमाणें तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांनी जें 'समाज जीवन' चित्रीत जालां तें केंद्रस्थानार आसा. हाका लागून तांच्या वेंचीक तियात्रांतलें 'समाज जीवन' हाचेर विश्लेशण करचे पयलीं 'समाज' ह्या उतराची व्याख्या आनी अर्थ जाणून घेवप खूब म्हत्वाचें.

समाजशास्त्रांत 'समाज' हें उतर सगल्यां परस चड गरजेचें, पूण समाजशास्त्राचे उतरावळींत ही संकल्पना सगळ्यां परस चड अस्पश्ट आनी व्यापक. सहकारी संस्था,

कृषी संस्था, मित्रत्वाची संस्था, जेजूची संस्था, तत्वगिन्यानी संस्था, आदी. ह्या देखींनी, 'समाज' म्हणल्यार फकत संस्था इतलेच मेरेन शिमीत ना. केन्ना-केन्ना आमी म्हणटात, 'म्हाका ताची संगत आवडटा', 'म्हाका कलाकारांचो पंगड आवडटा', 'हांव वयल्या पांवड्याच्या लोकां मदीं गेलों'. ह्या तिनूय वाक्यांनी 'समाज' ह्या उतराचें स्पश्टीकरण सांगात वा वांगडीपण अशें जाता. समाज ह्या उतराचो अर्थ शारी समाजपद्दती वा गांवगिरी समजापद्दती, आधुनीक उद्योगीक समाजपद्दती वा प्राचीन समाजपद्दती, उकत्या मनाचो समाज, बंदिस्त समाज असो आसा. अशें जाल्यार समाज म्हणल्यार कितें?

'समाज' ह्या उतराक इंग्लीश उतर 'Society' अशें आसा. कोंकणी भाशा मंडळ गोंय, हे संस्थेक भागा घेवन शब्दकोश डॉट कॉम हांणी *'इंग्लीश कोंकणी डिक्शिनरी'* ईप्रकाशीत केल्या. ह्या शब्दकोशांत 'Society' ह्या उतराचे अर्थ अशे मेळटात: संस्था, समाज, पंगड, मंडळ, संगत, समाज पद्दती, वयल्या पांवड्याचे लोक (Soni).

जॉर्ज सिम्मेल हांच्या मता प्रमाण, संगतीप्रीयतायेचो घटक हो समाजाचो खरो सार स्पश्ट करून दाखयता. मनीस हो सदांच दुसऱ्यांच्या सहवासांत रावता अशें तो सांगता (Rao 103). 'मनीस हो समाजीक प्राणी', हें एरिस्टोटलान शेंकड्यां पयलीं म्हणिल्लें (Rao 103). मनीस हो केन्नाच एकलो रावना; तो नगरांत, शारांत, जाती-मदीं, गांवांत रावता. एकसुरेपण मनशाक वाज आनी भिरांत हाडटा. मनशाक जगूंक, वावरूंक आनी जिवीत मजेन सारूंक समाजाची गरज पडटा. मनशाक जिवितांत वयर आनी फुडें सरूंक, समाज ही एक गरजेची वेवस्था. मानवी जिवीत आनी समाज सदांच वांगडा वता. एफ. एच्. गिडिंग्स हांच्या मता प्रमाण "समाज स्वता एक संघ, एक संघठण, उपचारीक संबंदांचो योग जातूंत वांगडी एकामेका कडेन परस्पर बांदिल्ले आसतात" (Giddings 11). पेज आनी मैकाइवर समाजाचें जें लक्षण मांडटा तें ताच्या स्वरुपाक अदिकूच स्पश्ट करता. मनशा मदीं जी चाल आसा, जी कार्य विधी आसा, एकामेकाक आदार करपाची जी

प्रवृत्ती आसा, राज्य करपाची जी भावना आसा, जातूंत जायते समूह आनी विभाग आसात, मनशाचे वागणुके संबंदान जें मेकळेपण आनी मर्यादा आसा, अशे वेवस्थेकूच समाज अशें म्हणटात. ही सामाजीक संबंदांची एक जडण-घडण, जी बदलत रावता. रायट अशें म्हणटात, "समाज हो मनशांचो पंगड न्हय तर ती एक वेवस्था जी व्यक्तीं मदें आशिल्ल्या नात्यां वरवीं अस्तित्वांत येता" (मायी 31). समाजाचो परीघ व्यापक आनी विशाळ आसा. समाजाचे स्थापने संबंदान डॉ. शिशिभुषण सिंहल बरयतात, "मनशाच्या विकास क्रमांतल्यान समाजाची स्थापना जाल्या. मनीस एक समाजीक प्राणी आशिल्ल्यान मनशान आपले रती संबंद आनी पुर्वजाचे वृतींक लागून आपल्या एकटेपणाचो त्याग करून कुटुंबीक जिवीत आपणायलां. ताचे उपरांत ताची सामाजीक भावना ल्हवू ल्हवू विकसीत जायत रावली. हाचो अर्थ समाज ही व्यक्तींची चैतन्यमय रचणूक आसा. समाज आपल्या सदस्यांक भायल्या घातक तत्वांक लागून नश्ट जावपा पासून सांबाळटा, रक्षा करून तांच्या व्यक्तित्वाचो विकास करता" (सिंहल 13). 'समाज' आमचें जिवीत जगपाक आमकां खूब आदावाचो जाता. समाज हो तरणाट्यांक प्रोत्साहन दिवपी, पुरुशत्वाचो आनी स्त्रीत्वाचो आखाडो. मॅक आयवराच्या मता प्रमाण, समाज हो सैमा परसा चड आसता. तो आमचे भितर आनी तशेंच आमचे सरभोंवतणीं आसा. मनशांच्या कार्यांक समाज फकत मेकळेपण दिना पूण कांय कार्यांक मर्यादा घालून दवरता. कितल्याश्याच तरांनी मनशाची वागणूक समाज नियंत्रणांत हाडटा. आमच्यो मनोवृत्ती, आमच्यो रुढी आनी आमच्या आदर्शांक आकार दिता. भावनीक विकास, बौध्दीक परिपक्वताय, शारिरीक गरजांची तृप्ती आनी भौतीक समाधान ह्यो गजाली आमच्यांनी समाजा विरयत चिंतूंक पासून जायनात. समाज हो आमच्या मानसीक साधनाचो एक भाग आनी आमी समाजाचो एक भाग.

व्यक्तिमत्वाची वाड जावपाक समाज उर्बा दिता. आमच्या गुणांक आनी शक्तीक मेकळेपण दिता आनी नियंत्रणांत दवरता (Rao 104).

समाज एक व्यापक उतर. आपल्या घराब्या सावन संवसारभरांतल्या मनशाच्या समुहा मेरेन समाजांत सगळें आसपावीत जाता. पूण समाज शब्दाचो वस्तुनिश्ठ आशय अशा जायत्या व्यक्तींच्या समुहांतल्यान जाता जांचो उद्देश स्पश्ट आनी स्थीर आसता. समाज अमूर्त आसा. तो सामाजीक संबंदांचो मेळ. समाजांत समानताय आनी असमानताय दोनूय पळोवंक मेळटात. ताका कसलीच भुगोलीक शीम आसना. समाजाचें क्षेत्र खूब विस्तारान भरिल्लें आसता. तशेंच तातूंत घुसपागोंदळूय आसता. आनी सगळ्या व्यक्ती मदीं समान वागणूक आसना. ह्या गजालींचो अभ्यास केल्यार हें स्पश्ट जाता की आज संवसारांतलो एक विशिश्ट समाज, समुदाय वा राष्ट्र हो समाज अशें म्हणूं येना, पूण वर्तमान परिस्थितींत पुराय संवसारूच एका पुराय समाजाचें रूप धारण करीत वता.

वेगवेगळ्या विद्वानांच्या समाजा संबंदान मांडिल्ल्या मतांचो तुलनात्मक अभ्यास केल्यार हें कळटा: समाज म्हणचे व्यक्ती समूहांतल्यान निर्मीत आनी विशिश्ट उद्देशांतल्यान तयार जाल्ली संस्था. व्यक्ती समुहांतल्यान निर्मीत आनी विकसीत जाल्ले संस्थेचो मुखेल उद्देश म्हणल्यार व्यक्ती समुहाची रक्षा, उदरगत आनी हीत. हो उद्देश खाजगी नासून भौशीक रुपांत आसता. समाजाची जबाबदारी आसता की आपले मदीं रावपी व्यक्तीं मदीं एकामेका कडेन सहयोग करपाची भावना विकसीत जावची; ताका लागून तांचे मदीं एकवट, शांती आनी इश्टागत स्थापीत जावची. अशे तरेन समाज म्हणचे मनशाचें एक अशें संघटण, जातूंत समाजीक संबंद आसतात.

'समाज' ही एक म्हत्वाची संकल्पना. भारतीय समाज, हिंदू समाज, स्त्री समाज, कुणबी समाज, ग्रामीण समाज, आदिवासी समाज अशे तरेन 'समाज' हें उतर वेगळयावेगळया अर्थांनी भरिल्लें आसा.

### 3.3 जीवन: व्याख्या आनी अर्थ

'जीवन' हें उतर स्पश्ट करप एक अत्यंत कठीण काम. तरी पूण मनशान ह्या उतराची विस्कटावणी केल्ली आसा. 'जीवन' ह्या उतराक इंग्लीश उतर 'Life' अशें आसा. कोंकणी भाशा मंडळ गोंय, हे संस्थेक भागा घेवन शब्दकोश डॉट कॉम हांणी 'इंग्लीश कोंकणी डिक्शिनरी' ईप्रकाशीत केल्या. ह्या शब्दकोशांत 'Life' ह्या उतराचो अर्थ असो नोंद जाल्लो आसा: जीव, जिवीत, संवसार, जीण, उर्बा, चरित्र, जीवन, उमेद, चैतन्य, संवसारयात्रा, जिवनप्रवास (Soni). बाकीच्या शब्दकोशांनी जिणेचो अर्थ – जीवंत रावप वा जल्मा पासून मरणा पर्यंतचो काळ. आमचें जीवन म्हणजे एक यज्ञ आसा जातूंत मनीस वेगवेगळ्या गजालींची आहुती दिता. मनशाचें त्यागान भरिल्लें जीवन हें खरें मनुश्य-जीवन आसा. तोल्स्तोयान जिवना विशीं अशें म्हणलां, "आमच्यांनी जीवनाक दुखपूर्ण वा सूखपूर्ण म्हणूं नजं. हांसप आनी रडप हांचें मिस्रण आशिल्लें आमचें जीवन आपल्याक स्वताच स्पश्ट करून वता'' (John and Lio 43) अर्थांत सूख-दुख्खाचो मेळ आशिल्ले जिणेक वास्तवीक रुपान खरें जीवन म्हणटात. मनीस आपल्या भविश्याक उज्ज्वल करपा खातीर निरंतर प्रयत्नशील आसता. ह्याच प्रयासाक जीवन म्हणटात. जीवन रुपी वस्त्र हें वेगवेगळ्या धाग्यांनी विणिल्लें आसता. जीवन हें न्हंयेच्या प्रवाहा सारकें, जें प्रत्येक क्षणाक नवें जायत आसता. जीवन हें व्यक्तीचें, समाजाचें, जनावरांचें, ज्ञात-अज्ञात वस्तूंचें लेगीत आसता.

हें सगळें जाणून घेतले उपरांत 'जीवन' हें पूर्ण रुपान शब्दांनी बांदपाक जायना हें जाणवता. जे तरेन सृश्टीची निर्मणी ही रहस्यमय आसा तेच प्रमाणें मनशाचें जीवन लेगीत रहस्यमय आसा. खंयच्याय सजीव तत्वाक समजून घेवप म्हणजेच जीवन. व्यक्ती वा व्यक्तींचो समूह तशेंच समाजाक समजून घेवप म्हणजेच संपूर्ण जीवनाचो आमी अभ्यास करतात.

### 3.4 समाजाचें स्वरूप

‘मनीस आनी समाज हांचे मदलो संबंद’ हो प्रस्न जायत्या समाजीक सोदांचो प्रथम मुद्दो. मनशा वरवीं समाज आकाराक येता.

मनीस आपली सुरक्षा करपाच्या हेतान हेर मनशां बराबर रावपाक लागलो हाकाच लागून समाज अस्तित्वांत आयलो अशें थॉमस होब्स हे इंग्लीश विचारवंत मानतात. मनीस हे सैमीक अवस्थेंत (state of nature) ताच्या अतिसुवार्थी सभावाक लागून आपल्या शेजाऱ्यां कडेन सदांच संघर्शांत रावतालो. होब्स अशें म्हणटात, मनशाचें जिवीत एकमुळें, वायट, क्रूर आनी ल्हान आशिल्लें. जण एकलो मनीस दुसऱ्या मनशाचो दुस्मान आशिल्लो. होब्सान आपल्या *‘लेवियाथन’* पुस्तकांत स्पश्ट केलां की मनीस सैमीक अवस्थेंत मातूय समाजीक नाशिल्लो. तांच्या मतान मनशाक आपल्या सांगात्यांच्या सहवासांत दुख्खां बगर आनीक कांयच मेळूंक ना. सगळे चडशे समानपणान सुवार्थी, स्वयंहीत सोदपी, धूर्त, हांवपणान जगपी, निर्दय आनी आक्रमक आशिल्ले. देखून मनीस सैमीक अवस्थेंत दर दिसा दुसऱ्यांचेर निश्ठूरपणान भुकेल्ल्या लांडग्या भाशेन झोंपय मारपाक तयार आसता. निसर्ग राज्यांतली परिस्थिती सोंसूंक जायना अशी जाल्ली देखून मनीस शांतीक आशेतालो, स्वता खातीर सुरक्षा आनी जिविताचे आनी संपत्तीचे निश्चीतताये खातीर लोक समाजीक करारांत भितर सरलो. परस्पर कबलातीन तांणी आपले सभावीक हक्क थोड्यांच्याच हातांत दिवपाचें थारायलें. एकलो सगळयां कडेन आनी सगळे एकल्या कडेन संबंदान रावपाचो करार केलो. हो करार निश्चीत समाजीक करार आनी सरकारी करार आशिल्लो. हो करार पूर्ण समुदायाचेर बंधनकारक जालो. देखून आपणाच्याच सभावांतल्यान निर्माण जाल्ल्या दुश्ट परिणामां पासून आपली राखण करपाक मनशान समाजांत सगळयां कडेन शांतीन रावपा खातीर स्वताक घडयलो.

सैमीक अवस्थेंत मनीस सगळया तरांच्या नेमांतल्यान आनी कायद्यांतल्यान मेकळे आशिल्ले कल्पनामय मुक्तीचो आनंद घेतालो अशें जॉन लॉक हे इंग्लीश राजकी तत्वगिन्यानी मानतात. सैमीक अवस्थेंत शांतीची, बरेपणाची, परस्पर मजतीची, आनी जतनायेची स्थिती आशिल्ली. पूण थंय कायदो आनी नितीची वेवस्था नाशिल्ली. देखून तांचें शांततायेचें जिवीत हलक्या दर्ज्याच्या मनशांच्या भ्रश्टाचारान आनी खोटेपणान अस्वस्थ जाल्लें. असले तरेचे 'दुश्ट स्थितीक' मनशाक जबरदस्तीन तोंड दिवंचें पडटालें. हातूंतल्यान पळपा खातीर आनी निश्चीतताय आनी सुरक्षा मेळोवपा खातीर मनशान नागरी समाजांत (civil society) भितर सरपाचो करार केलो. ह्या करारान सैमीक अवस्थेचो अंत केलो आनी ताच्या जाग्यार नागरी समाज नेमलो. लॉकान स्पश्ट केलें की ह्या समाजीक करारान उपरांत सरकारी नियंत्रणाक योगदान दिलें. समाजांत सरकार स्थापन जालें तेन्ना हो सरकारी करार रचलो आनी दुश्ट स्थितीची गैरसोय ना करपाक एका राज्यकर्त्याक वेंचलो.

ज्यांन जाक्स रुसो हे 18व्या शेंकड्यांतले फ्रासेज बरोवपी आपल्या 'समाजीक करार' (1762) ह्या फामाद पुस्तकांत बरयतात: मनीस सैमीक अवस्थेंत क्रूर आशिल्लो जो प्राचीन सादेपणान आनी रमणीय आनंदान जिवीत जगतालो. तो स्वावलंबी, संतुश्ट, स्वयंपूर्ण, निरोगी, निर्भय आनी बरो आशिल्लो. प्राचीन उपजत बुद्द आनी सहानुभुतिनूच ताका दुसऱ्यां कडेन एकवटीत केलो. ताका बऱ्या वायटाचें कांयच खबर नाशिल्लें आनी तो सदगुणांच्या आनी दुर्गुणांच्या सगळया समजांतल्यान मुक्त आशिल्लो. रुसोच्या मता प्रमाण सैमीक अवस्थेंत मनीस शुद्ध, सादें, निश्पाप, पूर्ण स्वातंत्र्य आनी समानताय आशिल्लें आनंदी जिवीत जियेतालो. मनीस सभ्यतायेच्या प्रभावांतल्यान मुक्त आशिल्लो आनी समाजीक कायदे आनी समाजीक संस्थांतल्यान अनियंत्रीत आसुनूय स्वताचो आनंद स्वताच अणभवतालो. पूण ही स्थिती चड काळ उरली ना.

लोकसंख्या वाडली तशीं सादेपण आनी कल्पीत आनंद नाच्च जालीं. कुटुंब स्थापलें, संपत्ती संस्था उदेल्यो आनी मानवी एकचार सोंपलो. मनीस "म्हजें" आनी "तुजें" ह्या अर्थान चिंतपाक लागलो. बळिश्ट आनी दुबळे, गिरेस्त आनी गरीब हांचे मदीं फरक वाडलो. जेन्ना  आदले अवस्थेंतलो एकचार आनी आनंद शेणलो तेन्ना झूज, हत्या, संघर्श, दुख्ख आदी दीसपट्टो क्रम जालो. ह्या सगळ्यांतल्यान नागरी समाज आकाराक आयलो. समाजीक करारांतल्यान सभावीक स्वतंत्रायेन नागरी स्वातंत्रायेक सुवात दिली. ह्या कराराक लागून साबार मनशांचो सामुदायीक एकवट जालो म्हणल्यारूच एक नागरी समाज जल्माक आयलो.

'समाज एक प्राणी' अशें इंग्लीश समाजीक तत्वगिन्यानी हर्बर्ट स्पॅन्सर हाणें सांगलां आनी हो प्राणी दुसऱ्या जैवीक प्राण्यां सारकोच आसा; प्राणी आनी समाजाचे गूणधर्म समान आसात म्हणून ताणें फुडें सांगलें. दोनूय, समानताय आनी सादेपण हांचे सावन असमानताय आनी किचकटी कडेन वतात. जशे हात बावळ्यांचेर अवलंबून आसात आनी बावळे कुडीचेर आनी तकलेचेर, तशेंच समाजीक प्राण्यांचे भाग एकामेकाचेर अवलंबून आसात. ते एकामेकाचेर इतले अवलंबून आसात की एकल्याचें दुख्ख पुराय समाजाक अपंगूळ करता. जशे मनशाचे हातपांय दोंशीं केल्यार जिवीत नासता तशेंच मनशाक समाजा कडल्यान पयस काडल्यार जिवीत नासता. मनीस समाजा भितर आनी समाजा अंतर्गत जगता (Rao 156-159).

## 3.5 मनीस: समाजाचो केंद्रबिंदू

समाज ही एक वेवस्था. मनीस हे वेवस्थेचो केंद्रबिंदू. जल्मा पासून मरणा मेरेनच्या जीवन प्रवासांत मानवी संस्कृतायेंत विवीध रिती-रिवाज आसात. समाजा भोंवतणचे सैमसृश्टींत म्हत्वपूर्ण घटना घडटात. मानवनिर्मीत आनी सैमीक घडणुकांचो मनशाचेर

प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष प्रभाव पडत आसता. देश, प्रदेश, वाठार, गांव, घर हांचे भितरल्यो आंतरीक शिमो बदलत आसतात. धर्म, जात, समाज आनी भाशा हांकां लागून समाजाक एक विवीध खाशेलपण फावो जाता. 'समाज' अशें म्हणटात तेन्ना 'समाजांतले लोक' अशें अभिप्रेत आसता.

मनीस समाजा पासून वेगळो आसना. समाजांत मनशाचो विकास जाता. मनीस एक सामाजीक प्राणी आशिल्ल्यान तो समाजांत मेळून-मिसळून जिवीत जगता. समाज सदांच खंयच्येय सामाजीक संरचनेच्या रुपानूच पळोवपाक मेळटा. ताची कसलीय विशेशताय आसूं, पूण तातूंत सामुदायीक चरित्र निश्चितूच मेळटा. समाज निरंतर विकसीत जायत रावता तशेंच ताचीं मुखेल दीसपट्टीं कार्यां दैवी शक्तींचेर न्हय जाल्यार उत्पादन प्रणालीच्या विकासाचेर आदारून आसतात. अशे तरेन समाज एक क्रियात्मक संघटण, संस्था, सभा समूह आसता जातूंत मानवी संबंद आनी विशिश्ट उद्देश आसपावतात.

मनीस एक समाजीक प्राणी. तो समाजीक पंगडांत, समुदायांत आनी समाजांत रावता. मनीस- जीवन आनी समाज चड करून वांगडा वतात. समाजा बगर मनीस कसोच जियेवपाक पावना. एकमुळें जिवीत ताच्यान सोंसूंक जायना. मनीस जीवशास्त्रीय आनी मानसशास्त्रीय पद्दतीन समाजांत पंगडांत रावपाक सज्ज जाला. मनीस-जीवन उदेवपाक आनी अखंड उरपाक समाज एक म्हत्वाची स्थिती जाल्या. समाज आमचे भितर तशेंच आमचे भोंवतणीं आसा. मनीस आनी समाज हांचे मदीं अस्तित्वांत आशिल्ले खोल संबंद अभ्यासप  म्हणल्यार समाज जीवनाची जाणीव करून घेवप.

भोव पुर्विल्ल्या काळांत एरिस्टोटल हांणी सांगिल्लें की मनीस हो समाजीक प्राणी. हो सिध्दांत समाजशास्त्राच्या मुखेल प्रस्नाक जल्म दिता, तो म्हणजे ‘मनशाची समाजीकताय’. म्हत्वाची वस्तुस्थिती म्हणल्यार मनीस सदांच समाजा कडेन संबंदीत

आसता. समाजा बगर मनशाच्यान रावूं नजं. ह्याच संबंदान समाजशास्त्रीय नदरेन कांय व्हड प्रस्न उपस्थीत जातात: “खंयच्या अर्थान मनीस एक समाजीक प्राणी? खंयच्या अर्थान मनीस  समाजा कडेन संबंदीत आसता? मनीस समाजाचेर कित्याक अवलंबून रावता? हे प्रस्न आमकां ‘मनीस आनी समाज हांचे मदलो संबंद’ ह्या बुन्यादी प्रस्ना कडेन व्हरतात.

‘मनीस आनी समाजा मदलो संबंद’ ही समाजशास्त्राची सगळ्या अडचणींतली एक खोल अडचण. खरें म्हणल्यार समाजशास्त्रीय अडचणी परस तत्वगिन्यानी अडचण व्हडली, कारण थंय मुल्यांचो प्रस्न उपरसता. आमी स्वताक एके वटेन आनी समाजाक दुसरे वटेन पळयतात. मनीस आनी पंगड, मनीस आनी सामुहीकताय. मनीस आनी समाज हांचें एकामेका कडेन देणें-घेणें कशें आसा? मनीस समाजाचो एक भाग आसा तो खंयच्या अर्थान समाजा परस व्हड आसा? खंयच्या अर्थान समाज मनशा खातीर अस्तित्वांत आसा? जेन्ना आमी एरिस्टोटलाचें विधान स्विकारतात की मनीस एक समाजीक प्राणी तेन्ना त्या सिध्दांन्ताचो अर्थ कितें? हे थोडे कठीण प्रस्न आसात.

मनीस जगता, स्वास घेता, काम करता, खेळटा, सुसेग घेता, प्रार्थना करता, आनंद घेता, यातना भोगता, केन्ना घामेता, केन्ना समाजांत ताचे सारक्या जनसमुहा भाशेन गाळी संवता हें सगळें आमकां पळोवपाक आनी अणभवपाक मेळटा. संस्कृताय आनी समाजीक वेगा वरवीं मनीस समाजाक रेवडिल्लो आसा. समाजांतूच मनशाक मानवसुत्रां कडेन जुळोवन घेवपाक जाय आनी पंगडाचो वांगडी जावपाक जाय. मागीर मनशाची स्वता विशीं आनी समाजा विशीं कार्य आनी जबाबदारी कितें? मनीस समाजांत शेणला काय फकत समाजांतूच तो स्वताक सोदपाक शकता? असले प्रस्न उपरसतात.

खंयचोच मनीस सादारपणान एकसुरो रावन विकसीत जावंक ना. तो आपलो खरो सभाव समाजांतूच मेळोवपाक पावता. मनशाच्यान वांगड्यांचो सांगात नासतना, कशेंच जगूं नजं, न्हय म्हणून आपलें व्यक्तीमत्व घडोवंक पावना. तरीय, मनशाचें स्वताचें जिवीत आसा, ताचें आत्मशासन आनी सभाव दुसऱ्या मनशांच्या जिविता कडेन भरसुपाक जायना.

समाज प्राणी न्हय आनी जावूं नजं. समाजाक कूड ना, तो सामान्य उद्दिश्टां खातीर मनशाची संघटणा.

सगळे कडेन आनी सगळ्या वेळाचेर आमी पंगडांचे वांगडी आसात. जी भास आमी उलयतात, जे कपडे आमी घालतात, जें जेवण आमकां जिवंत दवरता, जे खेळ आमी खेळटात, जी मोख आमी बाळगितात, ज्यो कल्पना आमी वेंगायतात तें सगळें संस्कृतायेंतल्यान निर्माण जालां. संस्कृताय ही एक समाजीक शक्ती. समाज आमच्या भुरगेपणा सावन आमचे सरभोंवतणीं आसा. आनी आमच्या सांगाता सुसेग घेवंचे सुवातेर आमचो पाठलाव करता. आमी समाजाचेर आनी ताचे प्रक्रियेचेर फकत उदरनिर्वाहा खातीर न्हय जाल्यार आमच्या जिविता खातीर अवलंबून आसात.

समाज फकत आमची हालचाल नियंत्रीत करिना; जाल्यार आमच्या विचारांक तशेंच आमच्या भावनांक आकार दिता. समाजाची रचणूक आमच्या स्वताच्या देहभानाची रचणूक जाता. समाज आमचे कातीच्या पृश्ठभागार सोंपना, समाज आमकां भितर रिगयता तितलोच तो आमकां भोंवतणीं दवरता. आमच्यो बंदखणीच्यो वणटी आमी संवसारांत येवचे पयलीं आशिल्ल्यो, पूण आमी स्वताच त्यो परतून बांदल्यात. आमच्याच सहकारान आमी बंदिस्त जाल्यात अशें पिटर एल बजर मानतात.

समाज आमकां वास्तवीक नदरेन प्रतिबंध करता, थंय कितें तरी आसा जें न्हयकारूं नजं आनी जाचेर आमी पातयेवन रावपाक जाय, अशें डर्कीम मानतात. समाज जरीय आमचे भायर आसलो तरीय आमच्या पुराय जिविताक आसपावन घेता. समाज संस्था आमचे क्रियेक देख दिता आनी आमच्या अपेक्षांकूय आकार दिता. आमचो समाज आमी जल्मुचे पयलीं आशिल्लो आनी आमच्या मरणा उपरांतूय आसतलो.

वर्तमान युगांत समाजांत भरिल्ल्या संघर्शांक लागून मनशाचें जिवीत त्रासीक जालां. मनशाक आपलें जिवीत भिरांतीन भरिल्लें आनी असुरक्षीत दिसता. पूण समाजाक लागून मनीस सुरक्षीत आसा. समाजांत मनीस एकलो उरूं नजं. सगळ्या क्षेत्रांनी आपल्या हिता कडेन तो लक्ष दिता. समाजाक कुटुंबीक, राजकी, अर्थीक आनी धर्मीक नदरेंतल्यान परस्पर संबंद आशिल्ल्या व्यक्तींचो समूह म्हणटात. मनशाच्या परस्परीक संबंदांक लागून तो वेगवेगळ्या क्षितिजांक स्पर्श करतना दिसता. हाचें स्रेय सामाजीकरणाचे प्रक्रियेक वता. समाज मनशाचे संघटणेचो असो घटक जो वेगळो काडपाक मेळना. मनीस समाजा वांगडाच आपल्या अस्तित्वाक वळखुपाक पावता. समाज संबंदांचो एक समूह. समाज मानव जीवनाचें एक म्हत्वाचें आंग. समाजा बगर मनीस जगूं नजं. समाज मनशाक आपले शिमेंत राखून दवरूंक सोदता (Rao 161-162).

### 3.6 समाजाचीं खाशेलेपणां

1) समाजांत लोक आसपावता. लोकांक लागून समाज घडटा. विद्यार्थ्यां विणें आनी शिक्षक नासतना महाविद्यालय आनी विद्यापीठ आसूं नजं. तेच तरेन लोक नासतना समाज घडना, समाजीक संबंद आसनात आनी समाज जीवनूय शक्य ना.

2) समाज हो लोकांचो असो एक पंगड जांचे भितर सातत्यान एकामेका मदीं विचारांचें देणें-घेणें जाता. दोन वा चड मनीस संपर्कांत येतात. समाज एक प्रक्रिया जंय मनीस

एकामेकाचें मन भितरल्यान समजून घेता. जे मेरेन दर एक व्यक्ती हेर समाजाच्या वांगड्या कडेन संबंद दवरपांत गुल्ल आसता ते मेरेन तो समाजाचो वांगडी आसता. हाचो अर्थ ती व्यक्ती समाजांतले हेर व्यक्ती कडेन सातत्यान परस्परक्रिया करीत आसता. समाजाचीं नियंत्रणां समाजाचे परस्परक्रियेच्या नियंत्रणाचेरूच आदारिल्लीं आसतात.

एकामेकाचे जागृतायेक लागून समाजाची परस्परक्रिया जमून येवपाक पावल्या. समाज म्हणल्यार समाजीक नात्याचें जाळें. पूण सगळीं नातीं समाजीक नातीं नासतात. जेन्ना दर एका वांगड्याक एकामेका विशीं जाण आसता तेन्नाच समाजीक नातीं अस्तित्वांत येतात. जेन्ना मनीस एकामेका कडेन वागता आनी दुसरो मनीस ताका मान्यताय दिता तेन्नाच थंय समाज निर्माण जाता. हे जागृताये विणें समाज आसूं नजं. हाकाच लागून समाजीक नात्यांक एकामेका विशीं जागृताय जाता.

3) समाज समानतायेचेर अवलंबून आसता. समाजाक समानतायेचो नेम चड गरजेचो. कुडीन आनी मनान जे एकामेकाक समान आसतात तांचे मदीं हो नेम अस्तित्वांत आसता. समानताय म्हणल्यार सारकेपण. गरजो, वावर, मोख, आदर्श, मुल्यां, जिविता कडेन पळोवपाचो दृश्टिकोन हांचे नदरेन लोकांचें एकसारकेपण आसता. जे तरेन *'समान पांखांचीं सुकणीं एकाच बरोबर उडटात'* तेच तरेन मनिसूय वागता.

एफ,एच्. गिड्डिंग्स म्हणटात, समाज हो एका प्रकाराचे समजणेचेर आदारिल्लो आसता. "दर एकल्याचो वा सगळयांचो सांगात, लागींपण, कसलेय तरेचें वा दर्ज्याचें मंडळ समजणी नासतना घडोवन हाडप खूब कठीण आनी हीच समजणी तेच समानतायेचेर आदारिल्ली आसा जी जण एकल्या मदीं आसता." थोडे भितर सांगपाचें म्हणल्यार, समाज हो समान मनशां आनी समान मनां वरवीं अस्तित्वांत आसता.

4) वेगळेपणाचेर लेगीत समाज आदारीत आसता. समाजाक वेगळेपण लेगीत लागू जाता. समाज हो पुरायपणान समानतायेचेर आनी एकरुपतायेचेर निंबून आसलो जाल्यार

समाजीकताय ना जावं येता. साबार मनीस एकेच तरेन वागतीत जाल्यार तांचे समाजीक संबंद चड करून मर्यादीत आसतले. तांचे मदीं थोडेंच देणें-घेणें जातलें आनी थोडीच अदलाबदल जातली. चडांत चड, तांचे मदीं वेगळेपण नासत जाल्यार तांचें जिवीत वाजेवणें, उबगणेचें आनी रस नाशिल्लें जातलें. देखून आमकां समाजांत वेगळेपण दिश्टी पडटा. देखीक: लिंगां भितर वेगळेपण जीवशास्त्राचेर आदारिल्लें आसता. लोकां मदीं एकामेका भितर रूप, व्यक्तीमत्व, कुशळटाय, गूण, मनोवृत्ती, उमेद, रूच, हुशारकाय, भावार्थ आदी हांचे वरवीं ते वेगळे थारतात. ह्या वेगळेपणाक लागून लोक वेगवेगळीं कामां करूंक फुडें सरतात. हाकाच लागून आमकां शेतकामती, वावराडी, शिक्षक, सैनीक, उद्देगपती, बैंकेंत वावुरपी, अभियंतो, दोतोर, आदवोगाद, लेखक, चित्रकार, विज्ञानीक, संगीतकार, कलाकार, राजकारणी, राजकारभार चलोवपी आनी हेर समाजांत आपले तांकी प्रमाण वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी काम करपी मनीस मेळटात. तरीय फकत वेगळेपणाकूच लागून समाज निर्माण जावूं नजं. हाका लागून समानताये उपरांत वेगळेपणाक भागाक घेवंचें पडटा.

5) मुखेलपणान समानताय आनी दुसरें म्हणल्यार वेगळेपण कामदारांची विभागणी निर्माण करता. दर एकल्याक वा पुराय पंगडाक नेमून दिल्ल्या वावराचो एक खाशेलो भाग दिल्लो आसता ते प्रमाण कामदारांची विभागणी त्या त्या वावराक जोडून आसता. देखीक, सामान्यपणान नेमून दिल्लें काम, कापसाच्या सुताचें लुगट तयार करपाचें काम पळयलें जाल्यार कितल्याश्याच लोकां मदीं तें वांटून घाल्लें आसता. शेतकार कापूस उत्पन्न करता तशेंच  सूत कांतपी, विणपी, रंगोवपी आनी वेपारी आसतात. तेच भाशेन घरांतल्या कामांची विभागणी करून तीं बापूय, आवय आनी भुरग्यां मदीं वांटून घाल्ली आसता. कामदारांची विभागणी विशेशताय निर्माण करता.

सहकारिते वरवींच कामदारांची विभागणी जावं येता. समाज हो सहकारितेचेर आदारीत आसा. आमच्या समाजीक जिविताची ती एक बुन्याद. सी. एच्. कुली म्हणटा, 'सामान्य इत्सा आसात म्हणून जेन्ना मनशाक कळटा तेन्ना सहकारिता उत्पन्न जाता'. सामान्य उद्दिश्ट मेळोवपा खातीर एकवटान मेळून काम करप असो ताचो अर्थ. एकामेकाक सहकार दिवन मनीस आपणाल्यो जायत्यो इत्सा आनी आंवडे पुराय करता.

6) समाज दुसऱ्यांचेर अवलंबून रावूंक सुचयता. देखीक, घराब्यांत दादलो आनी बायल एकामेकाचेर कशे तरेन अवलंबून रावतात ताचेर कुटुंबीक जीवन आदारिल्लें आसता. आपल्यो गरजो पुराय करपाक दर एकलो दुसऱ्याचेर अवलंबून आसता. समाज जेन्ना विकसीत जाता तेन्ना दुसऱ्याचेर अवलंबून रावपाचो आवाठ लेगीत वाडटा. आयज फकत दर एकलो मनिसूच एकामेकाचेर निंबून ना जाल्यार समुदाय, समाजीक पंगड, संस्था आनी राष्ट्रां लेगीत एकामेकाचेर अवलंबून आसात.

7) समाज हो स्थीर आसना, पूण तो सुडसुडायेन बदलत आसता. समाजांत बदल घडत आसतातूच. बदल हो मनीस समाजा भितर आशिल्लो कायम गूण. खंयचोय समाज चड काळा खातीर स्थीर उरू नजं. व्हाळांतलें वा न्हंयेंतलें उदक जे तरेन व्हांवता तेच तरेन समाज. तातूंत सेगीत बदल जायत आसतात. जाणटे मनीस मरतात आनी नवीं भुरगीं जल्माक येतात. नव्यो संस्था, संघ आनी पंगड निर्माण जातात आनी आदले जे आशिल्ले ते सैमीक तरेन नापयत जातात. काळाचे मागणेक लागून अस्तित्वांत आशिल्ल्या पंगडां मदीं बदल घडटात वा तांकांच लागून नवे पंगड निर्माण जातात. समाजांत सवकासायेन आनी मंद गतीन वा अवचीत बदल घडूं येतात.

8) समाज नियंत्रण दवरता. वांगड्यांचे वागणुकेचेर ताबो दवरूंक समाजाच्यो आपल्यो वेगळ्यो तरा आनी उपाय आसात. दुबावा विरयत सहकारिता समाजांत अस्तित्वांत आसा. पूण तिचे बराबर सर्त, वाद, ताण, बंड, विद्रोह आनी दुसऱ्याक चिड्डप हें सगळें

समाजांत येवन वचत रावता. अर्थीक वा राजकी वा धर्मीक फायद्याक लागून कितल्या फावटीं झगडीं जाल्लीं पळोवंक मेळटात. हें अशें मेकळें सोडलें जाल्यार समाजाची पुराय रचणूक इबाडटली. ताका लागून ताचेर नियंत्रण दवरप गरजेचें. लोकांचे वागणुकेक आनी तांच्या वावराक नेम कायदो लावंक जाय. समाजांत नियंत्रण दवरपाक समाजाचे वेगवेगळे उपचारीक आनी अनुपचारीक उपाय आसात. हाचो अर्थ, रुढी, परंपरा, लोकतरा, मुल्यां, शिश्टाचार, बरी चलणूक ह्यो कांय समाज नियत्रणांत हाडपाच्यो अनुपचारीक यंत्रणा आसात. तशेंच समाजांतल्या वांगड्यांची वागणूक नियंत्रणांत हाडूंक नेम, कायदे करपी, संविधान, पुलीस, कोर्ट, सैनीक आनीक हेर उपचारीक तरा खूब म्हत्वपूर्ण थारतात.

9) दर एक समाज दुसऱ्या समाजा परस वेगळो आसता. समाज तरेकतरांचे आसतात कित्याक तर  तांच्यो जियेवपाच्यो वेगळयो तरा आसतात, जशी संस्कृताय. लिंटनाच्या मता प्रमाण संस्कृताय म्हणल्यार समाजांत चलत आयिल्ली प्रथा. आमच्या जिविताची पुराय मर्यादा तातूंत आसपावता. तातूंत आमची मनोवृत्ती, न्याय, नैतीक, मुल्यां, श्रध्दा, कल्पना, आदर्श तत्वां आनी कायद्यां संबंदींच्यो, अर्थीक संस्था, आमचें विज्ञान आनी तत्वगिन्यान आसता.

संस्कृताय आनी समाज बरोबर वतात. संस्कृताय ही एका समाजाक दुसऱ्या समाजा पासून वेगळायता. फकत मानव प्राण्यां भितर आशिल्ली एकूच म्हत्वाची वस्त म्हणल्यार संस्कृताय. जनावरां भितर ती आमकां पळोवंक मेळना. संस्कृताय ही एक समाज न्हय, पूण समाजाचो ती एक घटक. घिलीनाच्या मता प्रमाण, संस्कृताय म्हणल्यार शिमीट जें समाजांत आशिल्ल्या दर एका घटकाक एकठांय बांदून दवरता; मनीस समाजांतल्या लोकां भितर भावनांचें आदानप्रदान करता; संस्कृताय ही तांचे वागणुकेची देख वा तरा.

10) एरिस्टॉटलान म्हणलां, मनीस हो एक समाजीक प्राणी. मनोविज्ञानीक मॅकडुगल म्हणटा, मुळांतूच मनीस समाजीक जाल्ल्यान मनशाचो स्वभाव हो संगतप्रीय स्वभावूच आसता. संगतप्रीय हाचो अर्थ म्हणल्यार मनशाक पंगडान रावपाची ओड आसता. मनीस हो सदांच मनशां मदीं रावता. ताच्यान तांचे बगर रावूं नजं. मनशाच्या ह्याच सैमीक स्वभावान समाजीक पंगड आनी संस्था निर्माण करून तांचे बराबर रावंक ताका नेट दिला (Rao, 104-105).

### 3.7 समाज जीवनाचे घटक

जंय जीवन आसा थंय संबंद आसा आनी जंय संबंद आसा थंय समाज आसा. हाचो अर्थ प्रत्येक मनशाचें जिवीत समाजीक जिवीत आसा; कारण ताका आपल्यो गरजो पूर्ण करपाक खंय ना खंय तरी हेरांचे मजतीची गरज लागता.

मनशाच्या जिवितांतले पुरुशार्थ धर्म, अर्थ, काम, मोक्ष सगळया समाजांच्या अंतर्गत येतात आनी तांची पुर्ती समाजांत रावुनूच जाता. आदलो काळ धरून वर्तमान काळा मेरेन समाजीक, राजकी, अर्थीक, धर्मीक आनी संस्कृतीक ह्या घटकांचो समाजाचेर प्रभाव पडटा तें स्पश्ट आसा. हे सगळे घटक खूब म्हत्वपूर्ण आसात. तांचेर थोडे भितर समाज जीवनाच्या संदर्भांत हें भाश्य.

### 3.7.1 समाजीक

समाजीक ह्या उतराचो विस्तार खूब रुंद आसा. म्हज्या अभ्यासाचे नदरेंतल्यान हांवें हे सकयल नोंद केल्ले मुद्दे नियाळाक घेतल्यात.

लग्न ही एक समाजीक संस्था. मनशाची संभोगाची प्रक्रिया नियंत्रणांत दवरूंक आनी शिस्तबध्द करूंक मनीस-समाजान तिची स्थापना केल्या. कुटुंब हे संस्थे कडेन तिचो लागींचो संबंद आसा. हरशीं पळयल्यार लग्न आनी कुटुंब एकामेकाक पुराय करतात.

गिलीन  आनी गिलीन हांणी म्हणलां, लग्न हें समाजांतल्यान कुटुंब निर्माण करपाक घेतिल्ली परवानगी. वॅस्टरमार्काच्या मता प्रमाण, कुटुंबांत लग्नाचें मुळावण आसा म्हणचे परस लग्नाचें मुळावण कुटुंबांत आसा अशें म्हणप योग्य थारता. लग्न ही समाजांतली संस्था जी वेगवेगळे संस्कृतायांनी अनेक तरांन गुथिल्ली आसता. तिचो उद्देश, कार्य आनी प्रकार समाजा प्रमाण वेगळे आसूं येतात पूण संस्था म्हूण सगळेच कडेन ती हाजीर आसता.

समाजांत चडांत चड गरजेचो पंगड म्हणल्यार कुटुंब. समाजाचो तो सगळ्यांत सोंपो आनी मुळावो प्रकार. समाजांतल्या सगळ्या पंगडां मदलो तो मुळावो पंगड. तो सगळ्यांत पयलो आनी समाजीक सैमाक चड लागीं आशिल्लो पंगड जातूंत भुरग्याची पयली वळख जाता. तो एक विशेश मुखेल पंगड कित्याक तर भुरग्याची मुळावी मनोवृत्ती कुटुंबांत निर्माण जाता. समाजांत दर एके व्यक्तीच्या जिवितांत कितलेशेच पंगड प्रभाव घालतात तातूंत घराब्यांतलो पंगड जे तरेन प्रभाव घालता ते तरेन लागींच्यान आनी सातत्यान खंयचोच पंगड घालिना. दर व्यक्ती जल्माक आयल्या तो वेळ धरून मरण ये मेरेन ताचेर घराबो कश्टान सतत प्रभाव घालीत रावता. घराबो हो पयलो पंगड जंय आमी आमकांच सोदतात. आमचे मदलो दर एकलो घराब्यांत वाडटा आनी दर एकलो खंयच्याय एका वा हेर घराब्याचो वांगडी आसताच (आहूजा आनी आहूजा, 339-377).

नात्या पध्दत ही सगळ्यां परस मुळाव्या समाजीक संस्थांचें स्वरूप दाखयता. नातें सर्वव्यापक आसता आनी दर एके व्यक्तीचें समाजीकरण आनी पंगडांचो एकवट सांबाळूंक कांय संस्थांनी ती म्हत्वाची भुमिका थारता. मुळाव्या संस्थांनी नातें हें मुखेलपणान गरजेचें आनी चड करून सगल्या घडणुकांचेर जावं त्यो समाजीक, अर्थीक, राजकी, धर्मीक वा हेर आपलो प्रभाव घालता.

समाजांत दादलो आनी बायल आसात. समाजाच्या वेगळेपणाच्या तत्वा भितर लैंगीक वेगळेपण लेगीत आसपावता. चडांत चड म्हत्व दिल्ल्या लैंगीक वेगळेपणाक पुराय मनीस-समाज चिकटून आसा. जरीय दादलो आनी बायल मनीस इतिहासाचे सुरवातीक सावन एकाच बराबर रावतात तरी दर समाज लैंगीकपणाचेर आदारून आपल्या वांगड्यांक वेगळायता. दादल्या आनी बायले कडेन वेगळे पद्दतीन वागता आनी तांचे कडल्यान समाजांत वागपाच्यो वेगवेगळयो तरा अपेक्षीत करता. एकलो दुसऱ्या परस व्हड आसचो अशीं हीं वेगळेपणां आवश्यक आसात म्हणून सांगिनात पूण वेव्हारांत घालून पळयलें जाल्यार लैंगीक वेगळेपणां हीं सदांच लैंगीक असमानतायेच्या अर्थान घेतात.

सैमा भाशेनूच, मनीस समाजाक लेगीत ताच्यो स्वताच्यो वेवस्था आसात. समाजाचे वेवस्थेचो समतोल सांबाळून दवरप हें आंतरीक बळाचेर अवलंबून आसता. समाजाच्या वेगवेगळया भागांनी बरे तरेन वेवस्था सांबाळळी आनी सगळीं कार्यां पूर्ण केलीं जाल्यार समाजांत समतोल आसतलो. सैमीक संवसारांत वेवस्था वा समतोल चड करून सांबाळून आसता पूण खूब फावटीं वावराचे सुवातेर कांय जुलूम जाल्ल्यान शांतताय इबाडटा. तेच पद्दतीन समाजीक संवसारांत समतोल जायतेदां अस्ताव्यस्त जाता. जेन्ना समाजीक समतोल अस्ताव्यस्त जाता तेन्ना समाजीक अवेवस्था भितर सरता. देखून समाजीक अवेवस्था ही दुसरी कितेंच न्हय पूण समाजीक असमतोलाचोच वांटो जातूंत समाजाच्या वेगवेगळया भागांचें सरळ कार्य इबाडूंक पावता (आहूजा आनी आहूजा, 378-393).

### 3.7.2 राजकी

राजकारण हें भोव पुर्विल्लें आनी तें समाजाचो एक वांटो. देशाच्या प्रशासनांत, शिक्षणाच्या मळार, धर्मस्थळांचेर, वेवसाय-धंद्याचेर, वेपारी संघटणांचेर राजकारणाचो प्रभाव दिसता. मनीस राजकी पद्दतींत खंयचेय तरी तरेन खंयच्या ना खंयच्याय वेळार वा खंयच्याय प्रकारान आसपाविल्लो आसता.

राजकारण ध्यानांत दवरप खूब गरजेचें कित्याक तर आमचे सरभोंवतणीं कितें घडटा ताची आमकां म्हायती आसूंक जाय. तशेंच सरभोंवतणीं कितें घडटा हाचें विशीं तुजें मत कितें आसा तेंवूय गरजेचें आसता. राजकी निर्णय जे लोक घेतले तांचो प्रभाव जायत्या जाणांच्या जिविताचेर पडटलो. जायते लोक राजकारण म्हणल्यार सरकार आनी कायदे करपी अशें मानतात पूण पळोवंक गेल्यार तो खूब घुसपागोंदळाचो विशय आसा. दर एक कायदो जो चालीक लागतलो ताचो परिणाम जायत्या जाणांच्या जिविताचेर जातलो. जे निर्णय घेतल्यात तांचो केन्ना केन्ना लोकांचेर वायट परिणाम जातलो. मतदारान दिल्ल्या दर एका मता वरवीं एक तर लोकांक फायदो जातलो नाजाल्यार तांचें लुकसाण जातलें.

दर एकल्यान राजकारण लक्षांत दवरूंक जाय; कित्याक, तुजे सरभोंवतणीं कितें घडटा ताचे विशीं आपणें सदांच जाणा जावंक जाय. देखीक, आपूण रावतां त्या वाठारांत एक नवो कायदो लागू केला जाल्यार आपणें आनी सरभोंवतणीं रावता तांणी हो नवो कायदो मोडूंक जायना. तशेंच भोंवतणीं कितेंय भयांकृत घडटा, कोणूय कायदो मोडटा जाल्यार आपणें जागृत आसूंक जाय. सरभोंवतणीं कितें घडटा ताचे विशीं आपल्याक खबर आसप चड गरजेचें.

आनीक एक कारण जाका लागून आमकां राजकारणा विशीं हुसको आसूंक जाय; तें म्हणल्यार फुडाराक जें करूंक सोदतात ताचे विशीं आपणें आपलें मत मांडूंक जाय. राजकी मळार फुडाराक कितें करपाचें आसा ताचेर सगल्यांनी आपलें मत मांडूंक जाय कित्याक आमी सगळीं एकामेकाच्या सांगातान रावतात  आनी कोणाकूय भायरायलो जाल्यार तें चुकीचें थारतलें. ते भायर, लोकशायेंत दर एका मताच्यान  फरक घडोवं शकता. आपले विचार हेरां कडेन पावोवप हें सगल्यां परस चड गरजेचें. जे प्रमाण आमी मत दितले ते प्रमाण जायत्या लोकांचे सदचे जिणेचेर प्रभाव पडटलो.

अखेरेक, आमकां राजकारणाचो हुसको आसूंक जाय; कित्याक, जे निर्णय लोक घेतले तांचो प्रभाव तांच्या आनी हेरांच्या जिविताचेर पडटलो. देखीक, जर कोणूय मनीस खंयचेय सुवातेर कितेंय बांदूंक सोदता तेन्ना त्या वाठारांत काम करतल्या लोकांक ते वरवीं खूब फायदो जावं येता; पूण त्याच वाठारांत रावतले लोक जांकां आपले जमनीचो मोग आसा आनी उदका आनी जेवणा खातीर ते ताचेरूच अवलंबून आसात जाल्यार तांची दुर्दशा जावं येता. केन्ना केन्ना कांय कल्पना आमकां बऱ्यो अश्यो दिसतात पूण त्योच मागीर दुर्दशेच्या मार्गार पावयतात (आहूजा आनी आहूजा, 433-448).

### 3.7.3 अर्थीक

अर्थवेवस्था समाजा खातीर गरजेची. वांगड्यांच्यो मुळाव्यो गरजो पुराय करपाचें काम खंयच्याच समाजाच्यान अर्थवेवस्थे बगर सारकें करपाक जमना. मनशाच्यो वाडट्यो गरजो भागोवपाक बरी अर्थवेवस्था जाय पडटा. अर्थवेवस्था ही समाजाची गरज आनी समाजीक रचनेची ती एक घटक.

समाजाच्या अर्थीक कार्यांत वांटेकार जायनासतना जगपाक आनी जिवितांत खरो अर्थ सोदपाक मनशा कडेन जमना. खंयचोच समाजीक संबंद अर्थीक नदरे बगर घडपाक

आनी तिगपाक पावना तेच भाशेन खंयचोच अर्थीक संबंद समाजीक बुन्यादी बगर घडपाक आनी तिगपाक पावना.

कार्ल मार्कर्स अर्थवेवस्थे विशीं म्हणटा: सामाजीक बदलांच्या तळा कडेन अर्थशास्त्र आसता. अर्थीक घडणुकांचो समाज जीवनाचेर परिणाम जाता आनी समाजीक विचारांचो अर्थीक मळाचेर परिणाम जाता. मनाशाच्या हातांत जसो पयसो येता तशी ताची अर्थीक परिस्थिती बदलत रावता (आहूजा आनी आहूजा, 412-432).

### 3.7.4 धर्मीक

मनीस समाजीक तसोच धर्मीक प्राणी. मनशाची लागणूक धर्मा संबंदीं भोव पुर्विल्ली आनी खूब खालायेची. धर्म हो सर्वव्यापक, स्थीर आनी मनशाक सदांकाळ आपले कडेन ओडून घेवपी असो समाजाचो घटक. मनशाक न्हय फकत जीवशास्त्रीय, अर्थीक आनी समाजीक गरज आसता तर ताका धर्माचीय तितलीच गरज आसता. बायबलांत अशी म्हण्णी आसा: मनशाच्यान फकत उंड्याचेर जगूं नजं. मनशाक उंड्या भायर धर्मीक बाजू लागता. हाका लागून मनीस खूब पुर्विल्ल्या काळा पासून धर्मप्रीय आसा.

धर्म हो हालींचो न्हय; ताची सुरवात केन्ना जाली हाचो थाव मेळना. धर्मसंस्था ही सर्वव्यापक आसता. सगळ्या समाजांनी भूतकाळांत आनी वर्तमानकाळांत धर्माचो आसपाव मेळटा. धर्मीक चाली-रिती आनी भावार्थ सगळेच कडेन एक सारके आसनात. कायदे, रुढी, परंपरा आनी चाली हांचे परस धर्म आनी नैतिकताय समाजाचेर ताबो दवरपा खातीर खूब प्रभावी आनी परिणामकारक थारता. मनशाची समाजीक जीण, अर्थीक, राजकी, तत्वगिन्यानीक, विज्ञानीक, आदी गजालींचेर आदारिल्ली आसा. धर्माचो तातूंत आसपाव आसा. सुरवातीक साकुनूच धर्माचो खूब मोटो प्रभाव समाजाचेर पडिल्लो आसा. अर्थीक यत्न, राजकी गती, शिक्षणीक वावर, आदर्श तत्वां,

शास्त्रीय सोद आनी कलेची उदरगत हांचेर धर्मसिध्दांतांचो प्रभाव झळकता. धर्म मनशाचे संस्कृतीक गरजेचेर आदारिल्लो आसा; ताणें मनीस जिणेचो आनी मनीस उदरगतीचो विस्तार केला.

धर्म मनशाच्या अदभूत विस्वासाचे भोंवतणीं घुंवता. देवभिरांत, श्र्ध्दापूर्ण आदर ह्या प्रत्यक्ष भावनां वरवीं मनीस धर्माक जोडिल्लो आसता. आराधना, समारंभ, पवित्र वस्तू, धावो वांटो, यात्रा आनी अश्या कांय प्रकारांनी वेगवेगळे समुदाय आपलें वेगळेपण स्पश्ट करतात. आधुनीक जगांत मनशाचें अस्तित्व पटोवन दिवपा खातीर धर्मीक फुडाऱ्यांनी वेगवेगळे सिध्दांत वा देवशास्त्राचो वापर केला. धर्म हो नैतिकतायेक खूब लागीं आसा आनी ताका लागून व्यापक नियम वेवस्था आकाराक येता. संवसारभरचे धर्म- हिंदू, बौध्द, जैन, कन्फ्युशियनिझम, क्रिस्ती आनी इस्लाम हे कितलींशींच वर्सां जालीं समाजाचेर प्रभाव घालीत आसात (आहूजा आनी आहूजा, 279-302).

### 3.7.5 संस्कृतीक

'संस्कृताय' हें उतर विवीध अर्थांनी भरिल्लें आसा. कांय फावटीं हें उतर वापरतना समाजशास्त्रीय अर्था कडेन आडनदर जाता. तशेंच, 'संस्कृताय' आनी 'शिक्षण' हीं दोनूय उतरां समानार्थी कशीं वापरिल्लीं दिसतात. 'सुसंस्कृत' आनी 'असंस्कृत' हांचे मदलो फरक खाजगी सभ्यतायेक लागू जावं येता. जो मनीस 'सुसंस्कृत' आसता त्या मनशाचो सभाव-गूण सगळयांक आवडटा. शिक्षीत मनीस अशिक्षिता परस 'सुसंस्कृत' आसता अशे तरेचो गैरसमज समाजांत अणभवपाक मेळटा. समाजशास्त्रांत 'संस्कृताय' म्हणल्यार खाजगी जीवनांतली सभ्यताय न्हय. समाजशास्त्रीय नदरेन ह्या उतराचो अर्थ खूब वेगळो आसा.

इतिहासकार ‘संस्कृताय’ ह्या उतराक वेगळ्या अर्थान पळयतात.  तांकां संस्कृताय म्हणल्यार पंगडाची जीण वा इतिहासाच्या कालमानांतली उंचेली प्राप्ती मेळोवन घेवपाची अशी प्रक्रिया. ‘उंचेली प्राप्ती’ म्हणल्यार कला, संगीत, साहित्य, तत्वगिन्यान, धर्म आनी विज्ञान असल्या क्षेत्रांनी विक्रम करप.

समाज जीवनाचो अभ्यास करप म्हणल्यार संस्कृतायेच्या अभ्यासा कडेन पावप. संस्कृताय हो समाज-विज्ञानाचो म्हत्वाचो भाग. सामान्यपणान मानसशास्त्र, राजकारण आनी अर्थशास्त्र हातूंत संस्कृतायेचो उपेग जाता. मनीसशास्त्रीय आनी समाज-विज्ञानीक मुलतत्वांत संस्कृतायेक म्हत्वाची सुवात आसा. संस्कृताय आनी समाज एकामेकाचेर निंबून  आशिल्ल्या कारणान तांकां दोंशीं करप जमचें ना.

संस्कृताय हें मनीसकुळाचें  एक अनन्य दायज जें मनीस समाजाचें एक खाशेलें लक्षण अशें मानतात. फकत मनीस-प्राणी संस्कृतीक वातावरणांत जल्मता आनी वाडटा जाल्यार दुसरे प्राणी सैमीक वातावरणा मेरेन शिमीत उरतात. मनीस समाजांत जल्म घेता तेन्नाच तो संस्कृतायेंतूय  जल्माक येता. मनशाक ‘समाजीक प्राणी’ म्हणटात तेन्ना ताका ‘संस्कृतीक प्राणी’ अशेंय म्हणप योग्य थारता. दर एक मनीस आपले संस्कृतायेचें प्रतिनिधित्व करता. संस्कृताय हो मनशाचो एकमेव खाशेलो गूण जो ताका हेर प्राण्यां कडल्यान वेगळायता.

‘संस्कृताय’ हें एक खूब विस्तार आशिल्लें उतर. हो विस्तार आमचे जिणेची चाल, आमची वागणूक, आमचें तत्वज्ञान आनी नितीशास्त्र, आमची नैतीकताय आनी शिश्टाचार, आमच्यो चाली आनी परंपरा, आमचो धर्म, राजकी, अर्थीक आनी दुसऱ्या तरांचें कार्य आसपावन घेता. मनशान जें आपल्या खासगी जिवितांत तशेंच समाजीक जीवनांत प्राप्त केलां तें सगळें संस्कृतायेक लागू जाता. संस्कृताय म्हणल्यार पुराय

समाजीक दायज जें मनीस पंगडा कडल्यान आपणायता (आहूजा आनी आहूजा, 247-278).

## 3.8 निश्कर्श

समाजशास्त्रांत ‘समाज’ हें उतर सगल्यां परस चड गरजेचें, पूण समाजशास्त्राचे उतरावळींत ही संकल्पना सगळयां परस चड अस्पश्ट आनी व्यापक. ‘जीवन’ म्हणजे एक यज्ञ  जातूंत मनीस वेगवेगळया गजालींची आहुती दिता. मनशाचें त्यागान भरिल्लें जीवन हें खरें मनुश्य-जीवन. जीवनाक दुखपूर्ण वा सुखपूर्ण म्हणूं शकना. हांसप आनी रडप हांचें मिश्रण आशिल्लें आमचें जीवन आपल्याक स्वताच स्पश्ट करून वता. मनीस समाजा पासून वेगळो आसना. समाजांत मनशाचो विकास जाता. मनीस एक सामाजीक प्राणी आशिल्ल्यान तो समाजांत मेळून-मिसळून जिवीत जगता. मनीस समाजाचो केंद्रबिंदू. समाजीक, राजकी, अर्थीक, धर्मीक आनी संस्कृतीक हीं समाज जीवनाचीं तासां.

## प्रकरण 4

# तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन: समाजकारण

### 4.1. प्रस्तावना

*'समाजकारण'* ह्या घटकाचें विश्लेशण करतना पयले सुवातेर लेखकान जीं कुटुंबीक नातीं चित्रीत केल्यांत तीं कशीं आसात तें सोदपाचो प्रयत्न जाला. ताचे उपरांत लेखकान समाजांत आशिल्ले प्रस्न कशे तरेन हाताळ्ळयात ताचेर भाश्य केलां. शेवटाक लेखकान अस्तुरे-दादल्याचीं रुपां कशीं पिंतारल्यांत तांचो थाव घेतला.

### 4.2 कुटुंबीक नातीं

कुटुंबांचीं वर्णनां करतना लेखकान कुटुंबांतलीं अनेक नातीं ध्यानांत घेतल्यांत. देखीक: घरकार-घरकान्न, पालक-भुरगीं, भाव-भयण, सून-सासू, मोगी-मोगिका, जाव-नणन आदी. हीं नातीं कसलो आकार घेतात? एकामेका कडेन कशे तरेन वागतात? हीं नातीं आदर्श जाल्यांत काय विस्कटपाक पावल्यांत? नात्यांची रुपरेशा कशी-कितें? ह्या भागांत अश्या तरांच्या साबार प्रस्नांक जापो सोदपाचो प्रयत्न जाला. लेखकान साबार तरांचीं नातीं दाखयल्यांत. हांगा अभ्यासा खातीर फकत घरकार-घरकान्न, पालक-भुरगीं, मोगी-मोगिका आनी सून-सासू हीं नातीं मुखेलपणान आयिल्ल्या कारणान तांची चिकित्सा केल्या.

### 4.1.1 घरकार-घरकान्न

घरकार आनी घरकान्न हांचीं साबार पात्रां सोद वावराक घेतिल्ल्या तियात्रांनी मेळटात. देखीक, बॅनी आनी बारबोजा (*भुरगीं आमची गिरेस्तकाय*), पावलू आनी पेरपेत (*गोवा.. गोईंग.. गॉन?*), ज्याकी आनी कोन्सू, कारमीन आनी फोर्सू (*झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय* ), फ्रॅन्की आनी रिटा (*एक्सिडण्ट*), रॉकी आनी मिलाग्रीन, एलॅक्स आनी फॅल्सी (*दिता तशें घेता*), माग्दू आनी फ्रांन्सीस (*म्होंवाळ वीख*), आंकल आनी आण्टी (*हॅलो आंकल*) आदी. हीं तियात्रांतलीं घरकार-घरकान्नीचीं पात्रां वास्तवांत आशिल्ल्या घरकार-घरकान्नीच्यो प्रतिमा पडबिंबीत करतात. ह्या पात्रांचीं नांवां आनी तांच्यो चाली-रिती अभ्यासले उपरांत तीं पात्रां क्रिस्तांव धर्माचीं म्हणून थावें जाता.

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत ज्याकी आनी कोन्सू हीं आपल्या काजारी जिवितांत एकामेकाक सांगात आनी सहकार दितात. काजारी जिवितांत कितेंय वयर-सकयल जाल्यार तीं एकामेकाक समजून घेवपाक सदांच मुखार दिसतात. ज्याकीक जेन्ना अपघात जावन दोळयांची नदर ना जाता तेन्ना कोन्सू आपल्या घरकाराची फिकिरीन सेवा करता. घरकाराक दोळयांची नदर मेळोवपा खातीर त्याग करता, जाल्यार *'अर्थ'* तियात्रांत रोजा जी आपूण देवभक्ती ण कशी वागता पूण आरीचे पिडेक लागून खाटीर पडून आशिल्ल्या घरकाराची सेवा करपाक खूब फाटीं उरता. व्हंकल-न्हवरो काजार जातात तेन्ना तीं इगर्जेंत पाद्री मुखार आनी हाजीर आशिल्ल्यां हुजीर एक म्हत्वाची भासावणी करतात. "...सुखांत तशें दुख्खांत, पिडेंत तशें भलायकेंत हांव तुका विस्वाशी रावतलों/रावतलीं म्हणून भास दितां..." (Lognachi Rit 8). व्हंकल-न्हवरो जी भासावणी काजारा दिसा करतात ती तांणी जिवीतभर पाळपाची आसता. कोन्सू ही भासावणी पाळटा जाल्यार रोजा हे भासावणेचेर उदक रकयता.

लेखक कोन्सू आनी रोजा हांच्या सभावांचेर उजवाड घालतना समाजांत आशिल्ल्या घरकान्नींचें (आनी घरकारांचें) जीवन जशाक तशें चित्रीत करता.

*'एक्सिडण्ट'* तियात्रांत फ्रॅन्की आनी रिटा हें जोडपें आसा. रिटा घरकाराक ताच्या घरच्यां कडल्यान पयस करता. फ्रॅन्कीचो बापूय अपघात जावन व्हिलचॅराचेर आसता. बायलेचें आयकून बापायचेर आयिल्ल्या प्रसंगा वेळार घर सोडून नव्या घरांत वचपाचो निर्णय घेता. असलीच वागणूक *'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांतलें जोडपें, फोर्सू आनी कारमीन, आपल्या भावाचेर/देराचेर आयिल्ल्या प्रसंगा वेळार घर सोडून वतात. ह्याच भावान फोर्सूचें काजार व्हड दबाज्यान केल्लें. काजारा दिसा सोरो सोंपलो म्हणून सोरो हाडूंक माटरसायकलीन वेता आसतना अपघात जावन ताची नदर ना जाता. ह्याच भावाक आदार करच्या वेळार बायलेच्या सांगण्याक लागून फोर्सू घर सोडून वता. कांय घरकान्नी अशे तरेच्यो आसतात तांकां घरकारांचीं घरचीं म्हणल्यार आडखळ कशीं दिसतात. ह्या घरच्यां खातीर पयशे खर्चप म्हणल्यार बोल्स रिकामें जावप. हे खातीर घरकान्न घरकाराक वेगळीं रावपाची मांडणी सुचयता. कांय घरकार असली बुद्द मानून घेतात आनी तीं वेगळीं रावपाक वतात. तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्ल्या तियात्रांनी रिटा आनी कारमीन हीं असली बुद्द दिवपी पात्रां जाल्यार फ्रॅन्की आनी फोर्सू आपले घरकान्नीचे मांडणेचें पालन करपी. लेखकान घरकान्नी नश्ट्या सभावाच्यो म्हणून  दाखयलां आनी घरकार तांच्या नश्ट्या सभावाक मोन्यांनी तेंको दितात अशें चित्रण केलां. वेगळीं रावपाक वचप म्हणल्यार संयुक्त कुटुंबा साकून विभक्त जावप. जनगणने प्रमाण गोंयांत 2001 ते 2011 ह्या काळांत सुमार 60 हजार घरांची वाड जाली. ही इतल्या प्रमाणांत वाड जावपाक विभक्त कुटुंबां कारणीभूत आसात अशें *'Nuclear family trend catching up in Goa: Census'* ह्या लेखांत मेळटा.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांचे तियात्र विभक्त कुटुंबाचो विशय हाताळून गोंयांतले असले बदतले प्रवृतीची दखल घेता तें थावें जाता.

*'दिता तशें घेता'* हो तियात्र रॉकीचें पात्र दोळयां मुखार दवरता. रॉकी हो एक सेवा निवृत्त जाल्लो आय. जी. पी. (पुलीस अधिकारी) आसता. रॉकी आपले घरकान्नीक (मिलाग्रीन) सांगता, "आगो मिलाग्रीन,... असल्योच नाडबुद्दी करून तुवें म्हाका भेंकडायलोय, बोनयलोय आनी निमणो सारको तुजे साडयेक गुटलायलोय. लोक म्हाका पॅटिकोट गव्हर्नमेण्ट म्हूण चावोंक लागलो..." (3/120). मिलाग्रीन रॉकीक पावला-पावलाक तापयता आनी रॉकी मिलाग्रीना मुखार एक हुकूम पाळपी जावंक पावता. अशेच तरेन *'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'* ह्या तियात्रांत बारबोजा हें पात्र जबरदस्ती चलयता. तिचो एकूच धेंगसो म्हणल्यार सगळीं चूप जातात. तिचो घरकार निवृत जाल्लो आर्मी ऑफिसर पूण आपले घरकान्नी म्हऱ्यांत तो गपचूप उरता. समाजांत कांय घरकान्नी 'हुकमी' सभावाच्यो आसतात ज्यो आपल्या घरकारांक हाताच्या बोटांचेर नाचयतात. असल्या घरकान्नींचें जीवन तोमाझिन्यु कार्दोजान मिलाग्रीन आनी बारबोजा ह्या दोनूय पात्रां वरवीं पडबिंबीत केलां. समाजांत कांय घरकार अशे आसतात जांचें घरकान्नी फुडूयांत कांय शाणेपण चलना. घरकान्नी आपल्या घरकारांक चपक्यांत दवरतात आनी घरकारांक ऊठ-बस करून तांचेर आपली सत्ता चलयतात. असले परिस्थितीक लागून घरकार बायलभित्रो जावपाक पावता. तोमाझिन्यु कार्दोजान अशे तरेन रॉकी आनी बॅनी हे 'बायलभित्रे' दादले चित्रीत केल्ले आसात.

*'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत लेखक एलॅक्स नांवाच्या पात्रा वरवीं बायलांचें 'हुकमी' जीवन जाग्यार घालतना दिसता. हो एलॅक्स कुडड्या पास्कूचो काजार जाल्लो पूत. फॅल्सी ही ताची घरकान्न. फॅल्सी आपले आवय (मिलाग्रीन) भाशेन एलॅक्साक

आपल्या चपक्यांत दवरूंक सोदता पूण एलॅक्स  आपली चाल चलयता. काजारा उपरांत एलॅक्स  आपल्या बापायक अदीक म्हत्व दिता तें पळोवन फॅल्सी एलॅक्साच्या कुडड्या बापायक सतावपाक सुरू करता. हे परिस्थितीक लागून तांचे मदें वादावादी जातात. एलॅक्साक भंय घालपा खातीर तें घर सोडून वेतलें म्हणून सांगता. एलॅक्स ताका सहजपणीं वचपाक दिता. तें घर सोडून वेता खरें पूण रोखडेंच परतून येता. फुडें मागीर फॅल्सी आपलो अधिकार गाजोवपा खातीर एलॅक्साक आपल्या चपक्यांत दवरच्या हेतान आपूण तुका डायवोर्स दितलें अशें सांगून ब्लॅकमेल करता. एलॅक्स फॅल्सीचें कशेंच आयकून घेना तें पळोवन तें जीव दिवपाची धमकी दिता. तरी पूण एलॅक्स  फॅल्सीचें कांयच काना-मनार घेना. फॅल्सीच्या मनार उजवाड घालतना तो सांगता, "तुज्या लागीं हांव काजार जालां तुका म्हज्या जिवितांत भागिदार करपाक, दूख सूख बराबर सोंसपाक, पूण म्हज्या पायचो दिरैत काडून तुका दिवपाक न्हय" (3/122). काजारी जिवितांत कांय फावटीं अधिकार मेळोवन घेवपा खातीर कुटुंब सांडोवप जाता आनी कांय फावटीं कुटुंब मेळोवन घेवपा खातीर अधिकार सांडोवंचो पडटा. खरें म्हणल्यार घरकारान आनी घरकान्नीन भागिदार जावप आनी दुख्ख-सूख बरोबर भोगप हो काजारी जिविताचो खरो मंत्र. समाजांत कांय घरकार अशेय आसतात जे एलॅक्सा भाशेन हो मंत्र वापरांत हाडपांत येसस्वी जातात हें लेखकान स्पश्ट केलां. ह्याच संदर्भांत एलॅक्स  आपले घरकान्नीक सांगता, "फॅल्सी... बरें करून आयक. तुज्या घरांत तुज्या डॅडीचो येस्ताद जाला तसो ह्या घरांत म्हजो जावंचो ना. तुजी मामी हुकूमशाय चलोयता ते परीं तुका करूंक मेळचें ना" (3/133). मिलाग्रीन आपूण हुकूम चलोवपी आनी आपले धुवेकूय हुकूम चलोवपाक बळ दिवपी. रॉकी बायलभित्रो जावन हुकूमशायेक बळी पडटा पूण एलॅक्स  आपली चाल चलयतना दिसता.

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत कारमीन निकतेंच काजार जालां. ताका आपल्या घरांत वावर करपाक आवडना. कारमीनाक घरकार रांदपाक सांगता तेन्ना कारमीन म्हणटा, "... हांव कुजनांत गेल्यार म्हजी लिपस्टीक वेतली, हांव कुजनांत गेल्यार म्हजें कुटेक्स पिड्यार जातलें आनी त्या धुंवरान हांव काळें जातलें..." (4/55). आदीं, चली काजार जावपाक फुडें सरचे पयलीं आपल्याक कितें जाय आनी कितें नाका हें सगळें शिकून घेताली. हातूंतली एक वस्त म्हणल्यार रांदप-शिनप. आपल्या घरकाराक रांदून वाडप हें घरकान्न आपलें कर्तव्य मानताली. काळा प्रमाणें सगळें बदलता आनी बदलत वता. कारमीनाक रांदप म्हणल्यार आपलें कर्तव्य अशें दिसना. कारमीनाचें पात्र आदींच्या काळाची मानसीकताय न्हयकारून बदलत्या काळाच्यो खुणो प्रदर्शीत करता.

घरकार आनी घरकान्न हांचीं पात्रां गोंयच्या क्रिस्तांव समाजांतलीं म्हणून स्पश्ट जाता. तियात्रांत चित्रीत जाल्लीं कांय पात्रां काजारा दिसा दिल्ली भासावणी पाळटात जाल्यार कांय पात्रां पाळिनात तें उजवाडाक आयलां. संयुक्त कुटुंबां विभक्त कुटुंबांनी बदलतात तें दिसता. तियात्रांत पडबिंबीत जाल्लीं घरकान्नींचीं पात्रां चडशीं 'हुकमी' सभावाचीं आसात जाल्यार कांय घरकारांचीं पात्रां बायलभित्र्या सभावाचीं आसात.

### 4.2.2 पालक-भुरगीं

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या कांय तियात्रांनी पालक आपल्या भुरग्यांक बरे चाली-रितीन, देखीन, तत्वां-मुल्यांनी बरे संस्कार दिवपाचें आपलें कर्तव्य पाळटात. हें विधान देखी दिवन स्पश्ट करतां:

**देख 1:** *'कांटेच कांटे'* हो तियात्र सुरू जातना विनोदाचे आवयचो आवाज सादता:

विनोद, तूं कितलोय गरीब जाल्यार लेगीत, आकूळ-पिकूळ जावपाची कसलीच गरज ना. तुजें मन गिरेस्त कर. प्रामाणीकपणीं गरीब-धाकट्यांक आदार दी, जात-कात पळेनासतना सगळ्यांची सेवा कर, स्वताचें बरेपण पळेनासतना कसल्याय भेद-भावांक फुडो कर. हीच तुज्या मनाची गिरेस्तकाय जावन आसा. तुज्या गुणांची, तुज्या करण्यांची, तुज्या स्वभावाची ही गिरेस्तकाय जावन आसा. ही गिरेस्तकाय संवसारांतले खंयचेच गिरेस्तकायेक सर करूंक जायना तसली जावन आसा... (2/6).

हो विनोदाचे आवयचो उपदेस ते आवय विशीं भरपूर सांगून वता. तिका मनाची गिरेस्तकाय हीच खरी गिरेस्तकाय दिसता.

**देख 2:** *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत पास्कूचें पात्र मेळटा. पास्कू हो एलॅक्साचो बापूय खूब समजीक आनी सहनशील. तो देवभक्ती करून जियेवपी. देवाचो मोग आपल्या पुताच्या काळजांत घालपी. मिसांक वचपी आनी सेर्मांवांत सांगलां तें पाळपी. शांती सवस्तकाय करपी, दुसऱ्यांचे गरजे-आकांताक सहजपणीं पावपी. हे अशे तरेचे संस्कार आपल्या भुरग्यांक दिवपी. ताचो पूत काजार जाले उपरांत घरांत आपल्याक लागून घोव-बायलेचीं झगडीं जातात तें जाणून पास्कू म्हणटा: "आरे पात्रीस, म्हजें ह्या संवसारांत आतां उरलां कितें रे? कांयच ना. आनी म्हाका लागून एलॅक्साचो फुडार असो जावप? ना पात्रीस, हांव म्हज्या पुताचो फुडार इबाडूंक दिवचो ना. वेळ पडल्यार हांवूच हें घर सोडून वेतोलों, हांवूच ताच्या जिवितांतलो कडसरतलों" (3/125).

पास्कू हो शांती सवस्तकाय करपी. ताका झगडीं-केस्तांवां नाकात. ताच्या पुताची निकतीच काजार जावन आयिल्ली घरकान्न आपल्याक त्रास दिता ते पासून तो मोन्यांनी

सोंसूंक तयार आसता. आपल्या पुताचो फुडार बरो जावंचे खातीर हें सगळें करूंक तो राजी आसता. पास्कूचे वागणुकेंतल्यान तो संस्कारी बापूय म्हणून थावें जाता.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी मुखेलपणान आवय आपलें आवयपणाचें कर्तव्य पाळटना कमी पडल्या तें दिसता आनी बापूय आपलें बापूयपण पाळटना अपंगूळ कसो पिंतारला. हें विधान स्पश्ट करपाक कांय देखी अश्यो आसात:

**देख 1:** *'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'* ह्या तियात्रांत बारबोजा आनी बॅनी हीं आवय-बापूय ब्रॅण्डा आनी ब्रांको हांचीं भुरगीं. बारबोजा ही समाज सेविका कशी आपलो वावर करता. जीं तरणाटीं वायट मार्गार पावल्यांत तांकां सरळ मार्गार हाडपाक वावुरता. ह्या तिच्या वावराची तुस्त-तोखणाय जावन तिका राज्य पांवड्या वयलो तसोच राष्ट्रीय पांवड्यावेलो पुरस्कार पासून प्राप्त जाता. हो वावर करतना तिका दिसाचीं कितलींशींच वरां दिवचीं पडटात. समाजसेवा करतना ती तरणाटे पिरायेर पाविल्ल्या आपल्या खाशा भुरग्यांक (ब्रॅण्डा आनी ब्रांको) वेळ दिवपाक पावना. तिचीं भुरगीं तिचे कडेन उलोवपाक सोदतात जाल्यार ती तांकां आपल्याक वेळ ना म्हणून सांगता. तिचीं भुरगीं तिचे कडल्यान आवयपणाची ऊब घेवपाक आंवडेटात पूण ती मेळना देखून वेसनांत घुसपतात. पूत ड्रग्सांच्या धंद्यांत पडून शेवटाक बंदखणींत पावता. धूव ड्रग्सांची शिकार जावन साबार चेड्यां कडेन भोग घेवन आवयपणाच्या भेसार पावता. बॅनी हो बारबोजाचो घरकार आनी ब्रॅण्डा आनी ब्रांको हांचो बापूय. तो एक निवृत जाल्लो आर्मी अधिकारी आनी आतां घरकान्नीच्या कुंपासार नाचपी. ताची नदर गेल्या. भुरग्यांक बरो रस्तो दाखोवंचे सुवातेर तो आपल्या भुरग्यां बराबर सोरो पियेवपी बापूय जावंक पावता.

**देख 2:** बारबोजा भाशेन *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत पेरपेत ही पावलूची घरकान्न चित्रीत जाल्या. केश्टी आनी पुवरी हांची आवय. ती आपलीं भुरगीं मॉडर्न

जातात देखून तांकां सगळो सहकार दिता. आपलीं भुरगीं तेर्स-मागणें हें कुटुंबाचें देवोसांव आतां ओल्ड फॅशन जालां म्हणटात म्हणून ती तेर्स-मागणें बंद करता. आपलीं भुरगीं एसीड पार्टेक वेतात देखून तीं मॉडर्न जाल्यांत म्हणटा. शेकीं मॉडर्न चालीक लागून तिचीं भुरगीं ड्रग्सांचीं शिकार जावन बेमर्यादेचें जिवीत जगून पुलिसांच्या ताब्यांत पावतात  तेन्ना मात तिच्या तोंडांत आलें पडटा. तिचो घरकार आरीच्या दुयेंसाक लागून खाटीर आसता. तो भुरग्यांक जाग्यार हाडपाचो प्रयत्न करता पूण आपले पिडेक लागून कमी पडटा.

**देख 3:** अशेच तरेन *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांतलें माग्दू हें आवयचें पात्र नदरेक पडटा. माग्दूचें घर दर्या वेळे लागसार आसता.  माग्दू पर्यटकांच्या पयश्यांक भुलून तांकां आपल्या घरांत दवरून आपूण भुरग्यां वांगडा घरा भायर आशिल्ले खोंपींत रावता. पर्यटकांक घरांत दवरले उपरांत माग्दूचीं तरणाटीं भुरगीं पर्यटकांचे वेसनी चलणुकेक बळी पडटात. माग्दूचो पूत (जॅरी) ड्रग्साच्या धंद्यांत पडून शेवटाक बंदखणींत पावता. तिची चली (लिंदा) ड्रग्साची शिकार जावन बेमर्यादेचें जिवीत जगपाक पावता. माग्दूचो घरकार आनी लिंदा-जॅरी हांचो बापूय फ्रांन्सीस कुवेटाक आसता. तो गोंयां येता तेन्ना हें सगळें पळोवन निराश जाता आनी पर्यटकांक घरा भायर धांवडायता खरो, पूण आपल्या भुरग्यां खातीर कांयच करूंक पावना.

तियात्रांत चित्रीत जाल्ले कांय पालक अशे आसात जांकां सत कितें आनी फट कितें हें बेस बरें समजता तरी ते आपल्या भुरग्यांचे वायट चालीक भुलून वतात. तांकां निटायेर हाडचे परस आपुणूच वाट चुकतात आनी तांच्या फटींगपणांत भागिदार जातात. आपल्या भुरग्यांचें आयकून आपले संस्कार आरते आसले परते करपाक पावतात. हे संबंदीं कांय देखी मेळटात त्यो अश्यो:

**देख 1:** *'अंतस्करण आनी कायदो'* हो तियात्र मुंडकार कायद्याचेर आदारीत आसा. बार्रेत भाटकार परदेशांत आसलो तेन्ना मारी आपलो पूत ज्योकी हाचे बरोबर बार्रेत भाटकाराच्या घरांत रावताली. जेन्ना मुंडकार कायदो पास जालो तेन्ना ज्योकी आपले आवयक सांगता, "मुंडकार कायद्या प्रमाणें भाटकाराचें घर आतां आमचें जालें." अशें करप म्हणल्यार फटींगपण हें मारीक खबर आसता. आपल्या पुताक तिणें सारकें कितें तें सांगून पुताक निटायेर हाडपाक जातालें  तरी पूण आपल्या पुताचें सांगणें आयकून फटींगपणांत ती भागिदार जाता.

**देख 2:** *'नोवी दिशा'*  तियात्रांत मार्गारिदा हें एके आवयचें पात्र लेखकान घालां. मार्गारिदाच्या प्रामाणीकपणाक लागून ती वेंचणूक जिखूंक पावता आनी मंत्री जाता. मंत्री जाले उपरांत ती प्रामाणीकपणाचीं पावलां मारूक सोदता तेन्ना तिचो पूत तिका म्हणटा, "...तूं फकत हांव सांगतां तशें कर.. ह्या पांच वर्सां भितर उणेच ते पन्नास क्रूट रुपया पूण एकठांवकूच जाय......" (3/193). मार्गारिदा प्रामाणीकपण कुशीक दवरून आपल्या पुताच्या सांगण्या वरवीं भ्रश्टाचाराची वाट आपणायता.

### 4.2.3 मोगाचीं वेग वेगळीं नातीं

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी मोगाचे साबार आयाम पडबिंबीत जाल्यात. त्या आयामांचेर उजवाड घालपी अश्यो ह्यो देखी:

#### 4.2.3.1 धर्मीक शीम हुपून वचपी मोग

*'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांत मारिया आनी विजय हांचो मोग लेखकान चित्रीत केला. मारिया क्रिस्तांव धर्माचें जाल्यार विजय हो हिंदू धर्माचो. विजयाचो बापूय एक नितिदार. आपूण वेंचणूक लडोवपाक फुडें सरता तेन्ना आपूण धर्मनिरपेक्ष वृत्तीचो (secular minded) म्हूण दाखोवन दिता. तशेंच मारियाचो भाव (दोतोर) आपूण

वेंचणूक लडोवपाक फुडें सरता तेन्ना आपुणूय धर्मनिरपेक्ष विचारांचो अशें सांगता. दोतोर आपूण दुसऱ्या धर्माच्या चेडवा लागीं काजार जावपाक पासून तयार आसतलो अशें मुलाखत दितना पत्रकाराक सांगता. मारिया आनी विजय हांच्या मोगाची खबर जेन्ना तांच्या घरच्यांच्या कानार पडटा तेन्ना तांच्या मोगाक आडखळ उबी जाता. नितिदार आनी दोतोर जे सभेमाजार आपूण धर्मनिरपेक्ष कशे दाखयताले ते धर्माच्या बंधनांक लागून मारिया आनी विजय हांच्या मोगाक खर विरोध करतात. असले परिस्थितींत  मारिया आनी विजय हीं मात आपलो मोग तडीक पावोवपाक साबार आव्हानांक फुडो करतात.

2011 ह्या वर्सा कुमुदीन दास आनी हेर हांणी प्रकाशीत केल्ल्या *'Dynamics of inter-religious and inter-caste marriages in India'* ह्या विशया वयल्या अभ्यासाची नोंद घेवप खूब म्हत्वाची. तांचो अभ्यास सांगता ते प्रमाण आंतरधर्मीक लग्नां संबंदीं गोंय भारतांतल्या हेर राज्यां परस उंचेल्या (26.67%) पांवड्यार आसा. *'काळोख आनी उजवाड'* हो तियात्र 1977 वर्सा आदींच्या काळाचें दर्शन घडयता. ह्या काळार गोंयांत आंतरधर्मीक लग्नां जावप खूब कठीण आसलें. असले परिस्थितींत ह्या तियात्रांत आयिल्ले आंतरधर्मीक लग्नां विशींचे विचार तोखणायेक पात्र आसात. ह्या तियात्रा वरवीं आंतरधर्मीक लग्ना विशीं जनजागृती जावन आंतरधर्मीक लग्नांनी प्रभाव दिसता.

#### 4.2.3.2 जातीची फास्की मोडपी मोग

*'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत लेखकान शिला आनी रवी हांच्या मोगाची काणी विणल्या. तीं दोगांय माहाविद्यालयांत शिक्षण घेवपी. शिला आपल्या मोगाची खबर बापायक सांगता आनी रवीक आपल्या बापायक मेळपाचो आगरो करता. रवी

शिलाच्या बापायक मेळूंक आयिल्लो आसता तेन्ना शिलाचो बापूय रवीक विचारता, शिलाचो बाबा खूब भाटांचो धनी म्हूण तूं जाणा?, शिलाचो बाबा लाखपती म्हूण तूं जाणा?, आरे शिला एका बामण कुटुंबांतली चली म्हूण तूं जाणा? (4/152-153). शिला बामण कुटुंबांतली चली आनी रवी सुदीर घराण्यांतलो. शिलाचो बापूय तांच्या मोगाक आडखळ हाडटा तेन्ना तीं दोगांय जातीची शीम हुपून आपलो मोग जैतीवंत करतात.

*'आमी सगळे एक'* हो तियात्र 1993 वर्सा आदींच्या गोंयच्या काळाचें दर्शन घडयता. ह्या काळार गोंयांत हिंदू समाजांत जातीचीं बंधनां कडक आशिल्लीं. लग्न जावंचे पयलीं जाती विशीं वासपूस करून घेवप जातालें. गोंयांत चडशीं लग्नां जातीचे बांदावळी भितरूच जातालीं. लेखकान चित्रीत केल्लीं शिला आनी रवी हीं पात्रां मात जातीची शीम हुपून वतात.

बामणाचे चलयेन बामण न्हय त्या चल्या कडेन लग्न जावपाक जायना? ह्या प्रस्नाची जाप अनेक तरांनी मेळटा. थोडे म्हणटात आंतरजाती लग्न जावप म्हणल्यार जाती वेवस्थेचेर एक काळो दाग लावप. आधुनीक विचारांच्या मनशांक आंतरजाती लग्न जावप ही समाजाची एक आधुनीक चाल. *'आमी सगळे एक'* हो तियात्र आधुनीक चाल चालीक लायता तें थावें जाता.

### 4.2.3.3 गरीब-गिरेस्त भेदभाव ना करपी मोग

*'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत लेखकान नॅन्सी आनी मायकल हांचो मोग चित्रीत केला. तीं दोगांय माहाविद्यालयांत शिक्षण घेवपी. नॅन्सी एका गिरेस्त बापायची (रापोजो) चली. तिचो बापूय राजकी फुडारी आशिल्ल्यान आपूण गरीब-गिरेस्त असो भेद करिना अशें सांगता. तो आपूण सगळ्यांक एकसारकें लेखपी राजकी फुडारी अशें सांगून दिता. नॅन्सी आपल्या बापायच्या हें असलें धोरण मतींत धरून आपल्या मोगाची

खबर बापायक सांगता तेन्ना तो नॅन्सीक म्हणटा, "... तूं गिरेस्त फामिलींतलें एकूच भुरगें. तुज्या घरांत तुका कांयच फाल्त ना, तूं एक राणी कशी जियेताय. तूं त्या शेतकामत्या लागीं काजार जालें जाल्यार त्या गरिबाच्या घरांत तुका हें सूख आनी हें धादोसपण मेळत? जो रेस्पेत आनी मान तुका आसा तो त्या शेतकामत्याच्या घरांत मेळटोलो?" (4/150). आपल्या बापायचें असलें उलोवप आयकून नॅन्सी दुखाभरीत जाता. नॅन्सीचो बापूय मायकल हाका आपले धुवेचो सांगात सोडपाक ब्लॅन्क चॅक दिता तेन्ना तो चॅक घेवन पिंजता आनी रापोजाच्या तोंडार मारता. मायकल घरांतलो भायर सरतना नॅन्सी ताचे बराबर भायर सरून ताका सांगात दिता. अशे तरेन नॅन्सी-मायकलाचो मोग गरीब-गिरेस्त हो भेद मानिना तें थावें जाता.

बापायक आपली धूव काजार जाले उपरांत तिचो फुडार परजळीत आनी रसरसशीत जाल्लो जाय आसता. हेंच चिंतून आपली धूव गिरेस्त घराण्यांत काजार जावंची अशें ताका दिसता. बापूय आपूण गिरेस्त वा गरीब आसूं, न्हवरो मात गिरेस्त आसचो अशी अपेक्षा बाळगिता. चलयेचो बापूय गिरेस्त आसत जाल्यार आनी त्या बापायक समाजांत मान-प्रतिश्ठा आसत जाल्यार तो आपले चलयेक मान-प्रतिश्ठा आशिल्ल्या घराण्यांत काजार करूंक फुडें सरता. नॅन्सी-मायकलाच्या मोगा प्रकरणांत रापोजो आपले चलयेक मान-प्रतिश्ठा आशिल्ल्या कुटुंबांत काजार करपाचीं सपना पळयता तें दिसता. समाजांत जीं कोण मोगा संबंदीं गरीब-गिरेस्त वा मान-प्रतिश्ठा हे मानसीकताये प्रमाण जगतात तांचें प्रतिनिधित्व हो तियात्र करता.

### 4.2.3.4 ढोंगी-भोगी मोग

*'हांवूच तो'* ह्या तियात्रांत डिसौजा आनी रोझिता हांचें मोगाचें चित्रण आयलां. पयल्याच पड्ड्यांत रोझिता एका एकसुऱ्या जाग्यार येता. ह्या जाग्यार एक बांय आसता,

जिचो चड करून जीव दिवपाक वापर जातालो. रोझिता जीव दिवपाक मुखार सरता तेन्ना शंकर नांवाचें पात्र ताका थांबयता. शंकर ताका जीव दिवपाचें कारण विचारता तेन्ना तें डिसौजा ह्या पुलीस इन्स्पॅक्टरान आपल्या लागीं मोगाचो खेळ खेळून आपल्याक आवयपणाच्या भेसार पावयलां आनी आपल्या लागीं आतां काजार जावपाक तयार ना अशें सांगता. अशेच तरेचो कामवासनी मोग *'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत डिक्रूज आनी फ्लोरा हांचे संबंदीं दिसता. डिक्रूज फ्लोरा लागीं मोगाचें नाटक करता आनी फ्लोराक आवयपणाचो भेस दिता. फुडें मागीर आपल्याक फ्लोराची आडखळ जावंची न्हय म्हणून ताचो खून करता.

खरो मोग करपी आपल्याचेर मोग करतल्याक केन्नाच सोडून वचपाचो ना. मोगाचें ढोंग करपी, मोगाचो फायदो घेवपी, मोगाचें नाटक करपी वा मोगाचो खेळ खेळपी आपल्या मोग करणाऱ्याक सोडून वचप सभावीक. ह्या मोग करतल्याचो उद्देश आपलेपणान भरिल्लो आसता. समाजांत अशे आपलेपणान भरिल्ले ढोंगी-मोगी कितलेशेच पळोवपाक मेळटात. ह्या ढोंगी-मोग्यांचो रूपकार लेखकाच्या तियात्रांत चित्रीत जाला.

### 4.2.3.5 आव्हानांक फुडो करपी मोग

*'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत लेखकान फ्रॅन्को आनी रोझिता हांचो मोग चित्रीत केला. रोझिता एका गिरेस्त कुटुंबांतली चली आनी फ्रॅन्को एका गरीब घराण्यांतलो आनी सकयले जातीचो चलो. रोझिताचो बापूय डिक्रूज समाज सेवकाचें रुपडें घालून स्मग्लींग करपी. रोझिता आपल्या मोगाची खबर आपल्या बापायक सांगून फ्रॅन्कोची आपल्या बापाय कडेन भेट घडोवन हाडटा. रोझिता गिरेस्त आनी उंचेले जातीचें आनी तूं गरीब आनी सकयले जातीचो अशें सांगून रोझिताचो बापूय फ्रॅन्कोक हिणसायता. आपले धुवेचो हात सोडूंक फ्रॅन्कोक तो लाखांनी दुडू दिता. फ्रॅन्को ते पयशे जमनीर शेंवटिता

आनी थंयचो भायर सरून वता. डिक्रूज आपले चलयेक फ्रॅन्कोक मेळपाचेर बंदी घालता. रोझिता जेवप-खावप सोडून दिता आनी  फकत रडकुळें तोंड करून आसता. फुडें मागीर रोझिता आपलो मोग येसस्वी करच्या हेतान फ्रॅन्को बराबर पळून वचपाची येवजण चालीक लायता. आपलो मोग जैताक पावचे खातीर तीं साबार आव्हानांक फुडो करूंक खूब त्याग करतात. अशेच तरेन *‘आमी सगळे एक’* ह्या तियात्रांतलीं शिला आनी रवी, मायकल आनी नॅन्सी, *‘समाज सेवा’* तियात्रांतलीं लिली आनी फॅलिक्स, *‘काळोख आनी उजवाड’* तियात्रांतलीं मारिया आनी विजय हांकांय आपलो मोग येसस्वी करपाक साबार आव्हानांक फुडो करचो पडटा.

चलो आनी चली हांचो मोग कसो सुरू जाता आनी केन्ना रुजून येता हें दोगांयच्या काळजांक थावें आसता. मोगाक दोळे आसनात अशें म्हणटात. मोग गरीब-गिरेस्त पळयना, मोग जातीचो भेदभाव वळखना, मोग धर्मांची शीम पाळिना... हीं वेग वेगळीं कारणांय अशें म्हणपाक जाता. मोगाक दोळे नात देखून समाजाचीं वेग वेगळीं बंदनां मोग तोडटा. हीं बंदनां तोडून उडयले उपरांत साबार आडमेळीं उबीं जातात. हीं आडमेळीं मागीर मोग करतल्यांक आव्हानांच्या रुपान हाताळचीं पडटात. फ्रॅन्को-रोझिताक आनी हेरांक ह्याच कारणांक लागून आव्हानांक फुडो करचो पडटा. अशे तरेचें मोगाचें रूप जें समाजांत मेळटा तेंच लेखकाच्या तियात्रांनी पडबिंबीत जालां.

### 4.2.3.6 प्रखर मोग

*‘हांवूच तो’* ह्या तियात्रांत लेखकान मारसेलीन नांवाच्या पिशाचें पात्र चित्रायलां. ताच्या पिशेपणा फाटली काणी लेखक सवकास सवकास उकती करता. मारसेलीन आनी सुझाना दोगांय एकामेकाच्या मोगांत आसलीं. तांचो मोग खूब खोलाय घेवपाक पाविल्लो. एकामेका विणें तांचें काळीज सांवरनासलें. एका दिसा सुझाना सवें एक

विचित्र घडणी घडटा. रॅक्स नांवाचो निश्ठूर मनीस सुझानाची अब्रू लुट्टा. सुझाना आपल्या सवें अशें जालें तें येवजून सुझाना गोळ घेवन जीण सोंपयता. ही मरणाची खबर आयकून मारसेलीनाच्या काळजाक धपको बसता. सुझाना आपल्याक ना जालें हें चिंतून-चिंतून तो पिसो जाता.

मोगी आनी मोगिका एकामेकाच्या मोगांत आसतात तेन्ना तांच्या मोगाक वेगवेगळया तरांची खोलाय आसूं येता. मोग करतल्यान आपल्याक सोडून दिलो जाल्यार वा कांय कारणांक लागून संवसार सोडून गेलो/गेलें जाल्यार थोड्यांक कांयच फरक पडना, कांय जाणांक मातशें दुख्ख जाता; कांय जाणांक आपल्या मोग करतल्या बगर रावपाक जमना जाल्यार थोड्यांक पिशें पासून लागूं येता. जितली मोगाची खोलाय आसता तितलो मोग करतल्याचेर परिणाम जावपाक पावता. मारसेलीन हाचें पिशें जावप म्हणल्यार ताच्या मोगाची खोलाय दाखोवन दिता. असल्या खर मोगाचेंय चित्रण जिणेचो एक वांटो म्हणून आयिल्लें आसा.

मोगाचें जोड-कथानक वा उप-कथानक आयिल्ले जायते तियात्र आसात देखीक: *'आमी सगळे एक'* (1993, शिला आनी रवी, मायकल आनी नॅन्सी), *'समाज सेवा'* (1990, लिली आनी फॅलिक्स), *'काळोख आनी उजवाड'* (1977, मारिया आनी विजय), *'इन्स्पॅक्टर'* (1974, दोतोर आनी झेलिया, लोपीज आनी सेलीन), *'आयचो समाज'* (1975, फ्रॅन्को आनी रोझिता, डिक्रूज आनी फ्लोरा), *'इश्ट'* (1976, रॉक आनी मोनिका), *'हांवूच तो'* (1978, डिसौजा आनी रोझिता, मारसेलीन आनी सुझाना), *'दिता तशें घेता'* (1987, क्लिफर्ड आनी रोझिता), ह्या सगळ्या तियात्रांनी लेखकान मोगाचे वेगवेगळे आयाम हाताळ्ळयात. हें सगळें ध्यानांत घेतलें जाल्यार पुरायपणीं मोगाची काणी आशिल्लो एकूय तियात्र मेळना.

1964 वर्सा तोमाझिन्यु कार्दोजान तियात्र बरोवपाक सुरवात केली. 2021 वर्सा मेरेन तांणी 40 तियात्र बरयल्यात. तांच्या 1964 ते 1994 ह्या काळांत बरयिल्ल्या तियात्रांनी मोगी-मोगिकेचो विशय व्हड प्रमाणांत दिसता पूण उपरांतच्या तियात्रांनी मोगाचो विशय आंवळून गेला. मोगाचो विशय कित्याक आंवळून गेलो? असो प्रस्न उप्रसता. लेखकाचें काजार जाले उपरांत मोगाचो विशय बंद पडलो व्हय? असोय प्रस्न वयर सरता. लेखकांचें काजार  1979 वर्सा जालें. काजार जाले उपरांत पासून मोगी-मोगिकेचो विशय तांच्या तियात्रांनी येत रावलो. मोगाचो विशय कित्याक आंवळून गेलो? 1994 वर्सा उपरांत कित्याक? 1995 वर्सा लेखक गोंय विधानसभेचो सभापती जालो. सभापती जाले उपरांत मोगी-मोगिकेच्या विशया परस तांकां समाजीक विशय अदीक म्हत्वाचे दिसले आसूं येता.

*'मोग कुड्डो, मोगाक दोळे आसनांत'* अशी एक म्हण आसा. लेखकाल्या तियात्रांनी हे म्हणीचो प्रचार जाल्लो दिसता. तियात्रांत प्रदर्शीत जाल्लो मोग धर्म-धर्माचें बंदन पळयना, जाती-कातीचो भेदभाव मानिना, गरीब-गिरेस्त अंतर करिना. मोग करतल्यांक आव्हानांची वाट उकती करता. ही आव्हानांची वाट तांकतना तीं फकत आपलो मोग तडीक पावंचो अशी आशा बाळगितात. तियात्रांतलीं चडशीं मोग करपी पात्रां मोगाचे खोलायेक लागून येसस्वी जावपाक पावल्यांत. कांय फावटीं तियात्रांत चित्रीत जाल्लो मोग ढोंगीपणान भरिल्लो दिसता; हो मोग फकत कुडीची आशा भागोवपा इतलोच मर्यादीत उरता. अशे तरेचो मोग हो मोग नासता पूण फकत तो एक मोगाचो खेळ अशें तियात्रांतल्यान स्पश्ट जाता.

शिला (आनी रवी), नॅन्सी (आनी मायकल), लिली (आनी फॅलिक्स), रोझिता (आनी फ्रॅन्को) हीं मोगिकां उंचेले जातीची वा गिरेस्त कुटुंबांतलीं अशें दिसता जाल्यार तांचे मोगी सकयले जातीचे वा गरीब कुटुंबांतले म्हणपाचें नियाळपाक मेळटा. मोगाक फकत

चलयेंच्या कुटुंबां कडल्यान आडमेळी उब्यो जातात ताचें चित्रण आयलां. मोगाक फकत चलयेंच्या कुटुंबां कडल्यान आडमेळीं येतात? असो प्रस्न उप्रासूं येता. चल्यांच्या कुटुंबां कडल्यान आडमेळीं कित्याक येनात? ह्या प्रस्नाची जाप तियात्रांनी मेळना.

### 4.2.4 सून-सासुमांय

*'एक्सिडण्ट'* तियात्रांत सासुमांय आपले सुनेक मारियाक त्रास दिता ताचें चित्रण आयलां. मारियाची कांयच चूक नासतना मारियाचो घरकार अपघात जावन सोंपता. अशा वेळार सासुमांय मारियाक आपल्या पुताच्या मरणाक जबाबदार धरता. मारियान आनी निकत्याच जल्मल्ल्या पुतान आपल्या पुताक खालो म्हणून सासुमांय तांकां दोंशीं थारायता. नाका जाल्ल्या उतरांनी खेपून मारियाक आनी ताच्या सुपुल्ल्या पुताक घरा भायर घालता. मारिया हें सगळें मोन्यांनी सोंसून घेता. *'दिता तशें घेता'* हया तियात्रांत मात उरफाटें घडटा. ह्या तियात्रांत रोझिता (सून) आपले सासुमांयक (मिलाग्रीन) नाका पुरो जायसर त्रास करता. हें त्रास करप फकत एक नाटक आसता. हें नाटक करपा फाटली काणी अशी: मिलाग्रीनाची धूव (फॅल्सी) ज्या घरांत काजार जाल्ली त्या घरांत ती आपल्या सासुपायक (पास्कू) सतायताली. रोझिताक हें मान्य नासलें, कारण ह्याच पास्कूक लागून तें उज्यांत लासपाचें साल्वार जाल्लें आसता. ह्या पास्कूक कोणेंय वायट केल्लें रोझिताक सहन जायनासलें. ह्याच कारणाक लागून रोझिता आपले सासुमांयक त्रास करपाचें ढोंग करून आपले सासुमांयचे आनी फॅल्सीचे दोळे उगडूंक पावतात.

*'दिता तशें घेता'* आनी *'एक्सिडण्ट'* हे तियात्र सोडले जाल्यार आनीक खंयच्याय तियात्रांनी सून-सासुमांयचो विशय आयिल्लो आसा. सून-सासुमांय ह्या विशया परस समाजीक विशय अदीक प्रमाणांत दिसतात.

## 4.3 समाजीक प्रस्न

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी अनेक समाजीक प्रस्न दिसतात. हांगा कांय म्हत्वाच्या समाजीक प्रस्नांचेर उजवाड घाला.

### 4.3.1 भाटकार-मुंडकाराचो संघर्श

पुर्विल्ल्या काळार सावन गोंयांत मुंडकारी वेवस्था आसली. भाटकाराच्या भाटांत मुंडकार रावताले. मुंडकार भाटकाराक फुकट सेवा दिताले वा भाटाची पळोवणी करपा खातीर आसताले वा कांय फावटीं भाटकार मुंडकाराचे काकुळटेक लागून तांकां भाटांत राबितो करूंक दिताले. फुडें मागीर मुंडकारांची हिसपा भायर सतावणी जावपाक लागली. मुंडकारांक विक्ते घेतिल्ल्या कामदारां भाशेन वागोवन तांचे कडल्यान जबरदस्तीन वावर करून घेताले. जे मुंडकार भाटकारांचें आयकनासले तांकां भायर सरपाक लायताले.

गोंयांत पुर्तुगेज सत्ता चलपाक लागली तेन्ना मात मुंडकारांची गुलामां भाशेन दशा जावपाक पावली. गोंयांत मुंडकार वर्ग वाडत रावलो. ह्या वाडट्या मुंडकार वर्गान 1901 वर्सा आपले प्रस्न पुर्तुगेज सरकारा मुखार दवरले. पुर्तुगेज सरकारान तांचे प्रस्न सुटावे करपाक मुंडकारां खातीर कायदो घडोवन हाडलो. हो कायदे मागीर 1959 वर्सा अदीक बळिश्ट केलो. भाटकाराच्यान मुंडकाराक भाटांतलो कारणा विणें काडूंक जायना अशें ह्या कायद्याक लागून घोशीत जालें. मुंडकाराक सुरक्षा प्राप्त जाली. अशे तरेची म्हायती मुंडकार कायद्या विशींच्या पयल्या अहवालांत मेळटा (Report No. 1. Mundkar Legislation).

गोंय मुक्त जाले उपरांत 1966 वर्सा गोंय सरकारान मुंडकारांच्या प्रस्नांचेर अभ्यास करपाक एक समिती नेमली. हे समितीच्या अहवाला प्रमाण गोंय, दमण आनी दीव मुंडकार कायदो, 1971 हो कायदो मुंडकारांचे हक्क राखपा खातीर आयलो. फुडें मागीर मुंडकारांक अदीक हक्क दिवपाक गोंय, दमण आनी दीव मुंडकार कायदो, 1975 हो कायदो चालीक लागलो. मुंडकाराच्यान आपलें घर विकतें घेवपाक जाता ही तजवीज कायद्यांत जाली. गोंयांत तेन्ना 41,000 मुंडकार कुटुंबां आशिल्लीं. ह्या कुटुंबांक ताचो लाव मेळ्ळो. अशे तरेची म्हायती क्युन्सी पैरैरा ह्या अभ्यासकाच्या *‘Evolution growth and today’s scenario of Mundkar system of Goa’* ह्या माथाळ्या खाला बरयिल्ल्या लेखांत मेळटा (Pereira).

तोमाझिन्यु कार्दोजान तियात्र बरोवपाक सुरू करचे पयलींच्या काळांतले तियात्रिस्त सहजपणीं भाटकार-मुंडकाराचीं पात्रां खेळयताले. खास करून भाटकारांचीं हिमटेपणां, तांचीं कमीपणां आनी तांची हुकूमशाय आदी स्वभाव दाखोवन तांच्या वायट स्वभावाचेर थोमणे मारप जातालें. मुंडकारांची बाजू मांडटना तांचो सोंशीक सभाव, तांची हुशारकाय, तांच्या कश्टांची खबर सांगून तांची तुस्त-तोखणाय करप जातालें. हीं भाटकार-मुंडकाराचीं पात्रां त्या काळाचें दर्शन घडयतालीं.

तोमाझिन्यु कार्दोजान पयलो तियात्र, *‘खाशा भयण’*, 1964 वर्सा बरयलो. तांणी तियात्र बरोवपाक सुरवात केले उपरांत भाटकार-मुंडकारांची परिस्थिती नवें वळण घेवपाचे वाटेक आशिल्ली. मुंडकार वर्ग शिक्षीत जावपाक पाविल्ल्यान तांचे तळमळे सरकारा मेरेन पावले. सरकारान तांकां कायद्याचो आलाशिरो दिवन सोंपेपणां आनी बरेपणां दिवपाचें आश्वासन दिल्लें *‘काळोख आनी उजवाड’* (1977), *‘अंतस्करण आनी कायदो’* (1979), *‘कांटेच कांटे’* (1980), *‘आमी सगळे एक’* (1993) ह्या तियात्रांनी भाटकार-मुंडकारांच्या संघर्शाचो विशय आयला.

कूळ कायदो आनी मुंडकार कायदो हांचे संबंदीं तांच्या तियात्रांनी घडणुको आनी संवाद मेळटात  तांचें हें विश्लेशण:

### 4.3.1.1  गोंय, दमण आनी दीव मुंडकार कायदो, 1975

*'अंतस्करण आनी कायदो'* (1979) ह्या तियात्राचे सुरवातिकूच डेवीड मुंडकार आपलें घर मोडपाक पावलां आनी तें सारकें करपाक रापोजो भाटकारा लागीं परवानगी मागता तेन्ना रापोजो सांगता:

गरज ना. तें घोर मोडूं दी आनी थंयच पोडूं दी. म्हज्या पायन तुज्या शापायक तें घोर रावपाक दिलोलें, सारकें कोरूंक न्हय. तुमकां जाय तेन्ना तुमी मेंढऱ्याच्या रुपान येतात. तुमी तुमचो मुंडकारापणाचो कायदो विसरल्यांत. आदीं आमच्या पुर्तुगेजांच्या तेंपार तुमी मुयो जावन साकर खाताले. म्हजे सगळे मुंडकार आख्खें भाट खणटाले, म्हज्या सगळ्या माडांक आळीं घालताले, म्हजें घोर, म्हजें ज्यार्दीन आनी सगळ्याची साफाय करताले. हें सगळें तुमी आतां विसरल्यात. जय हिंद जालां न्हय तोर? पुतां-धुवांक व्हडलें-व्हडलें शिकप दिवन दोतोर केल्यात, आदवोगाद केल्यात, इंजिनियर केल्यात. आरे तुमकां शिकप येता रे? ना म्हज्या भाटांत कोणाकूच कितेंच करूंक मेळचें ना (2/64).

लेखकान गोंयांत पुर्तुगेज आशिल्ले ताचो उल्लेख केल्लो आसा. ह्या काळा संबंदीं मुंडकारांची आवतिकाय किशी-कितें आशिल्ली ताची खबर वयल्या संवादांत नोंद जाल्या. ह्या काळार भाटकार मुंडकारां कडल्यान अनेक कामां करून घेताले. कांय जाण मुंडकारांची सतावणूक करताले.

वयर उल्लेख केल्लो देखावो मुंडकार कायदो येवचे पयलींच्या काळाची खबर करता. तेन्ना मुंडकारान आपलें घर सारकें करपाक परवानगी मागची पडटाली.  ह्या देखाव्यांत

रापोजो भाटकारा लागीं डेवीड मुंडकार येवन पांयां पडून एक उपकार मागता. आपलें घर मोडपाचे अवस्थेंत पाविल्ल्या कारणान तें सारकें करपाक परवानगी मागता. अशा वेळार रापोजो भाटकार डेवीडाक घर बांदपाक परवानगी दिना. मुंडकारांची सतावणूक जाता तें हो तियात्र उजवाडाक हाडटा.

1979 वर्सा *'अंतस्करण आनी कायदो'* ह्या तियात्रांची बरपावळ लेखकान केली. ह्या तियात्रांत पयलो पड्डो गोंयांत 1972 वर्सा पयलेंच जमीन सर्वेक्षण जालें  ताची याद करून दिता. दुसऱ्या पड्ड्याक साकून तियात्र पुरायपणीं मुंडकार कायदो चालीक लागले उपरांतचो काळ चित्रायता. गोंय सरकारान मुंडकार कायदो पास केलो ही खबरांपत्रा वयली खबर वाचून ज्योकी आपल्या शेजाऱ्याक डेवीड मुंडकाराक सांगता:

होय. आनी हो मुंडकार कायदो पास केलो म्हणटोच, आतां आमी मुंडकार त्या भाटकाराच्या चोपक्यांतले सुटले, आतां आमी मुंडकार त्या भाटकाराच्या जाळांतले मेकळे जाले. आतां मुंडकारांनी आपलीं घरां भाटकारांची परवानगी नासतना सारकीं करूक जातोलीं घराक इलॅक्ट्रिसिटी घेवंक जाय जाल्यार भाटकारान आडावंक जावंचें ना, घराक उदक जाय घेवंक जाय भाटकाराचे पांय पडपाची आनीक गरज ना. म्हणचे, आतां भाटकारांनी मुंडकारांक आपणाक जाय त्या कुंपासाचेर नाचोवंक घोडचे ना (2/75).

मुंडकार कायदो पास जालो तेन्ना त्या कायद्याचो लाब दिवपाक मुंडकारांक अनेक हक्क दिवपाची तजवीज जाली. ह्या अनेक हक्कां मदलें कलम 6 (घराक इलॅक्ट्रिसिटी घेवंक जाय जाल्यार भाटकारान आडावंक जावंचें ना, घराक उदक घेवंक जाय जाल्यार भाटकाराची मान्यताय घेवपाची गरज ना) आनी कलम 7 (आतां मुंडकारांनी आपलीं घरां भाटकारांची परवानगी नासतना सारकीं करूक जातलीं) हातूंत आसपाविल्ले हे दोन

हक्क ह्या तियात्रांत आयल्यात तें वयल्या संवादांतल्यान स्पश्ट जाता. हो तियात्र मुंडकारांचें मेकळेपण दाखोवन दिता आनी सांगाता नेमांची वळख दिवन जन जागृती करपाचो प्रयत्न करता.

ज्योकीं फुडें म्हणटा, "… जाणांय मुरे डेवीड, ह्या कायद्या प्रमाणें खंयच्याच मुंडकाराक भाटकारान घरांतलो भायर काडूंक जावंचो ना. दुसऱ्या उतरांनी जर एक मुंडकार एका घरांत चवदा वर्सां पासून रावता जाल्यार तें घर त्या मुंडकाराचेंच जालें. म्हणटोच डेवीड हें पळे, आतां हें घर म्हजेंच जालें आनी तें घर तुजेंच जालें" (2/76).

ज्योकींन मुंडकार कायद्या संबंदीं जें वयर विधान केलां त्या विधानाचे दोग भाग आसात. पयलो भाग: "… जाणांय मुरे डेवीड, ह्या कायद्या प्रमाण खंयच्याच मुंडकाराक भाटकारान घरांतलो भायर काडूंक जावंचो ना." दुसरो भाग: "दुसऱ्या उतरांनी जर एक मुंडकार एका घरांत चवदा वर्सां पासून रावता जाल्यार तें घर त्या मुंडकाराचेंच जालें. म्हणटोच डेवीड हें पळे, आतां हें घर म्हजेंच जालें आनी तें घर तुजेंच जालें"

विधानाचो पयलो भाग मुंडकार कायद्यांतले तजविजे प्रमाण आसा. मुंडकार कायद्या प्रमाण खंयच्याच मुंडकाराक भाटकाराच्या घरांतलो भायर काडूंक जावंचो ना. आदीं भाटकारां कडल्यान जी मुंडकारांची सतावणूक जाताली ती ह्या कायद्या वरवीं सोंपली. इतलेंच न्हय जाल्यार मुंडकाराच्यान आपूण रावता तें घर विकतें घेवं येता अशे तरेचो हक्क त्या कायद्यांत आसा. ह्या म्हत्वाच्या मुद्द्याची खबर ह्या तियात्रांत आयिल्ली दिसना.

जें विधानाच्या दुसऱ्या भागांत व्यक्त जालां तें मुंडकार कायद्यांत खंयच ना. हाका लागून विधानाचो दुसरो भाग मुंडकार कायद्याच्या आवाठांत बसना. जाल्यार ह्या तियात्रांत विधानाचो दुसरो भाग खंयच्यान आयलो? असो प्रस्न उबो जाता. पुराय तियात्र ह्या

विधानाच्या दुसऱ्या भागाचेर आदारून आशिल्ल्या कारणान हो तियात्र चुकीचे दिकेन गेला. ह्या तियात्रांत दाखयलां तें समाज जीवन वास्तवीक समाज जीवना कडेन जुळना.

लेखकान हो दुसरो भाग आपले कल्पनेचेर आदारून केला अशें म्हणपाक वाव मेळना, कारण, लेखक ह्याच तियात्रा विशीं बरयतना अशें नोंद करता, "जायत्या आशेच्या मुंडकारांनी ह्या कायद्याचो (मुंडकार कायदो) दुरुपेग करून कसो फायदो घेतलो (आनी आशेच्या भाटकारांनी बऱ्या मुंडकारांचेर परयांत अनीत केली ती दाखोवण) म्हणल्यार *'अंतस्करण आनी कायदो'* (2/62). 'ह्या कायद्याचो' हीं उतरां मुंडकार कायद्याची खबर करतात. ह्या उतरांक लागून हो तियात्र काल्पनीक म्हणूंक जायना. दुसरे सुवातेर हो तियात्र पुरायपणीं मुंडकार कायद्याचेर आदारीत अशें लेखक म्हणटा तें सारकें ना कारण हो तियात्र विधानाच्या दुसऱ्या भागाचेर केंद्रीत आसा. खरें म्हणल्यार गोंयांत पयलें जमीन सर्वेक्षण जालें ह्याच विशयाचेर हो तियात्र केंद्रीत आसा म्हणपाक वाव मेळटा.

*'कांटेच कांटे'* हो आनीक एक तियात्र ज्या तियात्रांत मुंडकार-भाटकाराचो विशय आयिल्लो आसा. हो तियात्र 1980 वर्सा उजवाडाक आयलो. ह्या तियात्रांत बोबो भाटकाराचें पात्र आसा. ताच्या भाटांत ज्योकीं नांवाचो मुंडकार रावतालो. ह्या ज्योकींक बोबो भाटकार आपलो मुंडकार न्हय म्हणूंक सोदी आनी ताका घरांतलो भायर घालूंक सोदी. अशा वेळार विनोद नांवाचो समाज सेवक मुंडकार कायद्याचो आलाशिरो घेवन ज्योकींक सगळे हक्क मेळोवन दिता. गोंयांत मुंडकार कायदो चालीक लागले उपरांत भाटकार-मुंडकारांच्यो कागाळी वाडपाक लागल्यो. कांय भाटकारांनी मुंडकारांक कायद्यांत आशिल्ले हक्क सहजपणीं दिले जाल्यार कांय भाटकारांनी ते हक्क दिवपाक कुस्तार केलें. हाकाच लागून असले भाटकार मुंडकाराक आपलो मुंडकारारूच न्हय म्हणपाक लागले (Report 2 Agricultural Tenancy Act). अशे तरेच्या ह्या समाज जीवनाचें पडबिंब ह्या तियात्रांत आयलां.

ह्याच तियात्रांत फुडें मागीर पांडू हें मुंडकार पात्र विनोदा कडेन आपली कागाळ घेवन येता. हो पांडू आपलो चुडटांचो कुमांव विटांनी बांदूंक सोदी पूण पांडूचो भाटकार ताका परवानगी दिना आनी वयल्यान ताचो कुमांव मोडून उडयता. विनोद ताका मुंडकार कायद्याची खबर सांगून कशें-कितें करचें ते विशीं मार्गदर्शन करता. ह्या तियात्रांत मुंडकाराचे हक्क उबारून धरल्यात तें थावें जाता. मुंडकार कायदो वापरांत येवन हो कायदो जायत्या भाटकारांक जडार पडपाक लागलो ताचें वास्तवीक चित्रण ह्या तियात्रांनी आयलां.

*'कांटेच कांटे'* हो लेखकाचो राजकी वियशा वयलो पयलो तियात्र. ह्या तियात्रांत रॉक हो राजकी फुडारी म्हणटा, "... त्या मुंडकार एक्टाक लागून त्या मुंडकारांचें इतलें वाडलां की भाटकाराची परवाच करिनात, भाटकारांक कांयच न्हय कशे करतात. खरेपणीं त्या मुंडकार कायद्याक लागून भाटकार आसले ते मुंडकार जाल्यात आनी मुंडकार आसले ते भाटकार जाल्यात. ही दळडिरी अनीत नास करूंक जाय. म्हणल्यार मुंडकार एक्ट दुरुस्त करूंक जाय" (2/50).

आदीं भाटकार मुंडकारांचेर अन्याय करीत आयिल्ले ते आतां मुंडकार कायद्याक लागून अशक्त जाल्यात तें ह्या तियात्रांतल्यान उजवाडाक आयलां तें वयल्या संवादा वरवीं स्पश्ट जाता. मुंडकार कायदो भाटकारांक म्हारग पडलो. खास करून मंत्रीमंडळांतले खूबशे मंत्री भाटकार आशिल्ले हाची खबर तियात्रांत केल्या तांकां ह्या कायद्याची मोटी आडखळ जाता तें दिसता. हो तियात्र गोंयचे सत्य परिस्थितीचेर उजवाड घालता.

वयर उल्लेख केल्लो मंत्री रॉकी मुंडकार कायदो दुरुस्त करपाची खबर करता आनी मुखेल मंत्री तर शेवटाक मुंडकार कायदो भायर उडोवचो असो निर्णय दिता. मुंडकार कायद्याक लागून भाटकार-मुंडकारां मदें उचांबळाय जावपाक पावता. अशा वेळार

तियात्रांत चित्रीत जाल्लीं पात्रां मुंडकार कायदो दुरुस्ती करपाची आनी मुंडकार कायदो भायर उडोवपाची सुचोवणी करतात. ह्या तियात्रांत 1980 वर्सा कायद्यांत दुरुस्ती केल्ली सुचोवणी, 2009 वर्सा *'The Goa Mundkars (Protection from eviction) (Amendment) Bill, 2009'* ह्या नांवान विधानसभेंत पावता. तशेंच त्या अहवालांत सुर्यास्त कलमा वरवीं मुंडकार कायदो बंद करपाची सुचोवणी तातूंत मेळटा. 1980 वर्सा केल्ली विचारांची भविश्यवाणी 2009 वर्सा साकार जाता तें थावें जाता.

**4.3.1.2 गोंय, दमण आनी दीव कूळ कायदो, 1964**

गोंय, दमण आनी दीव कूळ कायदो, 1964 – शेतांच्या कुळांक सुरक्षा दिवपा खातीर केल्लो हो कायदो. 1975 वर्सा ह्या कायद्यांत बदल हाडलो. ह्या बदलाक लागून एकाच खिणा भितर कुळांक धनी जायशे केले. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांत ह्या बदलाचो संदर्भ मेळटा तो असो:

शेंभू नांवाचें पात्र नितिदार ह्या पात्राक मेळूंक येता. शेंभू एक मुंडकार. नितिदार शेंभूक सांगता, "आरे शेंभू, तूं इतलो काचाबूल जालाय? नीत तुजे वाटेन आसा. आयज नीत गरीबांचें पळेता, गिरेस्तांचें न्हय, मुंडकारांचें व्हडपण पळेता, भाटकारांचें न्हय. ऊठ, तूं घाबरोनाकाय, तूं रोयताय ती जमीन तुकाच मेळटोली, नीत तुज्या सांगाता आसा" (5/12).

*'काळोख आनी उजवाड'* हो तियात्र 1977 वर्सा आदींचें दर्शन घेवन येता. कूळ कायद्यांतल्या बदलांचो हावेस रोखडोच तियात्रांत आसपावून आयलां तें उगडापें जाता.

1975 वर्सा कायद्यांत बदल हाडलो. ह्या बदलान कुळांक थोडें मोल फारीक करून धनी जायशे केले. अश्या वेळार जे भाटकार आसले ते धनीपण वगडावंक पावले. कांय भाटकारांनी धनीपण राखपाक कसतल्याक कूळ मानपाक न्हयकार दिलो. कुळान

धनीपण मेळोवपाक आपूण कूळ म्हणून सिध्द करपाक जाय तेन्नाच कुळाक धनीपण दिवं येता अशी भुमिका घेतली. हाका लागून मामलेदार कोर्टांनी केशी वाडल्यो. *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांतलें शेंभू नांवाचें पात्र असलेच कठीण परिस्थितींतलें कुळाचें पात्र. शेंभू आपल्याक जमीन मेळटली वा ना हें चिंतून काचाबूल जाला तें वयल्या संवादांतल्यान थावें जाता. हो तियात्र हे असले परिस्थितीची दखल घेता  आनी त्या काळांतले शेतकारांचे जिणेची, तांच्या प्रस्नांची खबर ह्या तियात्रांत आयल्या.

कूळ कायद्या संबंदीं कागाळी मामलेदारान हाताळप आसतात. *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांतलें शेंभू नांवाचें पात्र नितिदाराक मेळूंक येता हें विचित्र दिसता. नितिदाराच्या पात्रा परस मामलेदाराचें पात्र युक्त जावपाचें. फुडें हेंच नितिदाराचें पात्र वेंचणूक लडोवपाक उमेदवार कशें उबें रावता. नितिदार वेंचणूक लडयतलो जाल्यार तांणी पयली राजिनामो दिवचो आसता. ह्या तियात्रांत राजिनाम्याची खंयच खबर केल्ली दिसना. हें पात्र वेंचणूक लडयता तें कायद्या प्रमाणें सारकें ना, गोंयच्या समाज जीवनांत तरी अशें कांय घडूंक ना. नितिदाराचें पात्र वास्तवीक समाज जीवन कडेक दवरता तें थावें जाता.

वयर उल्लेख जाल्ल्या तियात्रांनी कूळ कायदो आनी मुंडकार कायदो ह्या दोनूय कायद्यां वरवीं मुंडकारांचें वास्तवीक समाज जीवन पडबिंबीत जालां. ह्या तियात्रांनी भाटकार वर्ग मुंडकारां कडेन चडसो निश्ठुरायेन वागता ताचें चित्रण आयिल्लें आसा. अशे परिस्थितींत मुंडकार वर्ग चडसो पिडणूक सोंसून घेता आनी फुडाराक आपलो हक्क जागयता. हे दोनूय कायदे अस्तित्वांत आयले उपरांत मुंडकार वर्ग आपलो हक्क मेळोवपाची धडपड करतात आनी खूब प्रमाणांत येसस्वी जातात तें उजवाडाक आयलां.

### 4.3.2 येरादारी वेवस्थेचें राष्ट्रीकरण

लेखकान *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत गोंयचें येरादारी वेवस्थेचें चित्र उबें केलां. 'ह्या तियात्रांत वेंचणूक जिखले उपरांत मुखेल मंत्री कॅबिनेट बसका घेवन नॅशनलायजेशन ऑफ ट्रान्सपोर्ट हो मुद्दो चालीक लावचो काय ना हे विशीं बसकेंत विचार मांडटा. अशा वेळार कांय मंत्री ह्या मुद्द्याक विरोध करतात जाल्यार मंत्री विनोद एकलोच लोकां खातीर आपलो आवाज उबारतना म्हणटा:

बस ट्रान्सपोर्ट सिस्टम नॅशनलायज करून बसींच्या धनयांक मार बसतलो तें खरें आसा. पूण आयज गरीब जनता, जी ह्या बसींनी भोंवता, तिका सदांच मार बसता, हाचे वयर आमी नियाळ केला? आयज बस क्लिनर्स आनी बस कंडक्टर तांकां मनशांची किम्मत म्हणलोली ना. बसींनी भोंवपी गरीब लोकाक ते सुण्या वून पाश्ट नदरेन पळयतात. शेंबर वो दोनशीं बसींच्या धनयांक मार बसतलो म्हणून हजारांनी गरीब लोकाक अशेंच वळवळयांनी मारूक सोडप हें सारकें चुकीचें जावन आसा. ही गरीब लोकाचेर चालू आसलेली अनीत आमी ना करुंकूच जाय. आनी हें करूक एकूच उपाय आसा, आनी तो म्हणल्यार नॅशनलायजेशन ऑफ ट्रान्सपोर्ट (2/48-49).

बराबरचो वांगडी मंत्री श्यामराव रागार जावन विचारता, "विनोद, म्हजे लागीं सुमार 35 बशी आसात, म्हज्या भावा लागीं सुमार आनीक 20 बशी आसात. बस ट्रान्सपोर्ट नॅशनलायज करून तुमी म्हाका, म्हज्या भावाक आनी म्हज्या आख्या कुटुंबाक फोडांत घालूंक येवजितात? (2/48-49). शेवटाक मुखेल मंत्री कोणाक बस ट्रान्सपोर्ट नॅशनलायज जाल्लो जाय ताणें हात वयर काडपाक लायता तेन्ना विनोद एकलोच हात उबारता. हे वरवीं बस ट्रान्सपोर्ट नॅशनलायज  करपाचो मुद्दो कडेक पडटा.

लेखकान *'कांटेच कांटे'* हो तियात्र 26 मे 1980 ह्या दिसा कला अकादमीचे सातवे तियात्र सर्तींत सादर केलो. तियात्र बरयलो तेन्ना म्हणल्यार 1980 वर्साचे आदीं गोंयांत फकत खाजगी बस धनयांच्यो बशी चलताल्यो. ही अशे तरेची येरादारी वेवस्था खूब वायट दशेर पाविल्ली हाचें भोव थोडें चित्रण विनोदाल्या संवादांत आयलां. ही वायट दशा सुधारावपाक गोंयच्या सरकारान म्हत्वाचें पावल उबारलें तें म्हणल्यार आपणें बशी घालपाचो थाराव घेतलो. अशा वेळार खाजगी बस धनयांचो विरोध आयलो. बस धनयां मदले थोडे मंत्री आसले. ह्या तियात्रांत हें असलेंच गोंयचे येरादारी संदर्भांतलें वास्तवीक चित्रण आयलां. समाजांत जे प्रस्न आसात ताची दखल ह्या तियात्रांत मेळटा.

फुडाराक सरकारान गोंयांत बशी घाल्यो. तांचे बराबर खाजगी धनयांच्यो बशी चालू उरल्यो. बस ट्रान्सपोर्ट नॅशनलायज करपाचो प्रयत्न जालो खरो पूण तो पुरायेन नॅशनलायज जावंक ना.

### 4.3.3 रांपणकार आनी ट्रॉलरकार

*'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत रांपणकार वा ट्रॉलरकार हांचो प्रस्न चित्रीत जाला. ह्या संदर्भांत मुखेल मंत्री म्हणटा, "तिसरो प्रस्न जो आमच्या सरकारा समोर आसा तो रांपणकारांचो. रांपणकार मागतात एका अर्दांत आनी ट्रॉलर ओनर दुसऱ्या अर्दांत. दोगांय मदें एक झूज कशें पेटलां. कोणाकूच दुखयनासतना आमी हो प्रस्न सोडोवंक जाय. सांगात हाचे वयर आमचो सरकार कशें पावल मारूंक येवजिता?" (2/52).

नुस्तें मारप हो गोंयचो एक भोव पुर्विल्लो मुखेल वेवसाय. पुर्तुगेजा काळार गोंयांत नुस्तें मारपाचो वेवसाय बोर्ड ऑफ एक्सटर्नल ट्रेड एंड ऑफीस ऑफ कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स ही संस्था चलयताली. नुस्तें मारपाक तंत्राचो वापर जायनासलो. फकत परंपरीक पद्दतीन नुसतें मारप जातालें. 1963 वर्सा भारत सरकाराच्या अन्न आनी शेतकामत मंत्रालयान

गोंयच्या नुस्त्याच्या वेवसायाचें परिक्षण करपाक एक समिती वेंचली. गोंय सरकाराचो नुस्तेंमारी विभाग ह्याच वर्सा घडलो. ह्या खात्यान परंपरीक पद्दतीन नुस्तें मारतल्यांक तंत्रीक पद्दतीन नुस्तें मारपाक प्रोत्साहन दिलें आनी अर्थीक फाटबळ फावो केलें. रीण घेवपाची सुविधाय दिली. 1961त फकत चार ट्रॉलर आसले आनी 4,125 परंपरीक पद्दतीन नुस्तें मारपाचे पनेळ आसले. चडश्या रांपणकारांक सरकाराच्यो येवजण्यो समजूंक ना आनी आवडूंक ना कारणा रांपणकार वर्ग शिक्षीत नाशिल्लो. अशा वेळार बिगर खारवी वर्गान सरकारी येवजण्यांचो लाव घेतलो. सरकारी येवजणेचो उद्देश साकार जालो खरो पूण तो युक्त मनशांक पावलो ना.  ट्रॉलर्सांचो आंकडो वाडत गेलो. 1980 वर्सा म्हणल्यार सुमार 1,128 ट्रॉलर दर्यांत दिसूंक लागले. ट्रॉलरांचो आंकडो वाडले उपरांत रांपणकारांचे प्रस्न वाडत रावले. रांपणकारांनी दर्या देगे साकून 5 किलोमिटर मेरेन नुस्तें मारूं येतालें, ताचे उपरांत  ट्रॉलर वापरप्यान नुस्तें मारपाचें आसलें. हो नेम दुर्लक्षीत करून ट्रॉलर वापुरपी कांय फावटीं लागींच नुस्तें मारताले. ट्रॉलर वापरप्यांक लागून कांय फावटीं रांपणकारांचीं जाळां पासून पिंजून वतालीं... रांपणकारांचे येणावळीचेर वायट दशा आयली. असले परिस्थितींत रांपणकारांनी आपल्याचेर जातले अनितीक लागून साबार फावटीं निशेध केलो. अशी म्हायती शेरोन आनी अविनाश हांच्या *‘Ramponkars in Goa Between Modernisation, Government and the Deep Blue Sea’* ह्या माथाळ्या खाला आशिल्ल्या सोदलेखांत मेळटा (Sharon and Avinash).

ह्या तियात्रांत असल्याच रांपणकार आनी ट्रॉलर ओनर असोशिएशन हांचे मदल्या संधर्शाचो विशय आयला. वयर नोंद केल्या ती म्हायती ध्यानांत घेत जाल्यार हो तियात्र 1980 वर्साचीच परिस्थिती पडबिंबीत करता म्हणपाचें कळटा.

### 4.3.4 बिगर गोंयकार

तोमाझिन्यु कार्दोज हांचो *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* हो तियात्र मुखेलपणान बिगर गोंयकार ह्या विशयाचेर केंद्रीत आसा. हो तियात्र 2000 वर्सा आदींचें दर्शन घडयता. लेखकान हो तियात्र 1988 वर्सा आपणेंच बरयिल्ल्या *'ओके बाय बाय'* ह्या तियात्राचो बदल करून केल्लो रूपकार. 1980च्या दसकांत गोंयांत जी आवतिकाय आशिल्ली ते आवतिकायेचो नियाळ हो तियात्र घेता. ह्या दसकांत गोंयांत बिगर गोंयकार नासले अशें लेखक तियात्रा विशीं बरयतना सांगता. खरें म्हणल्यार 1971 वर्सा गोंयांत 1,05,261 बिगर गोंयकार आशिल्ल्याची नोंद मेळटा (Goa Govt. Report). लेखकाक ह्या आंकड्याची खबर नासली जावं येता वा बिगर गोंयकारांचो परिणाम नदरेक येवंक नासलो अशेंय जावं येता. 2001 वर्सा गोंयांत 2,28,869 बिगर गोंयकार आशिल्ल्यांची नोंद मेळटा. 2000 वर्साच्या अदमासाक गोंयांत बिगर गोंयकारांचो आंकडो वाडत वता तें नियाळून तोमाझिन्यु कार्दोज आपल्या *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रा वरवीं रॉनी ह्या वकिलाच्या पात्राच्या संवादांतल्यान एक भंय व्यक्त करपी प्रस्न उबो करता, तो म्हणल्यार 15-20 वर्सांनी आमचें गोंय, आमचें गोंयकारपण आनी आमची अस्मिताय कशी-कितें जातली? रॉनीक गोंयचे अस्मितायेचो आनी संस्कृतायेचो हुसको जाला तें ताच्या प्रस्ना वरवीं थावें जाता. 2013 वर्सा *'Migrants may outnumber locals by 2021, says Goa govt report'* ह्या माथाळ्या खाला प्रकाशीत जाल्ल्या लेखा वरवीं अशेच तरेची भविश्यवाणी व्यक्त जाल्या. आतांची परिस्थती ध्यानांत घेतली जाल्यार जी खंत ह्या तियात्रांत व्यक्त जाल्ली आसा ती खरी जावपाचे वाटेक आसा हें थावें जाता.

ह्या तियात्रांत बिगर गोंयकार पंचायत वेंचणूक जिखता ताचें चित्रण आयलां. 2000 वर्साच्या काळांत बिगर गोंयकाराच्यान पंचायत वेंचणुकेंत उबो रावून वेंचणूक जिखूं

येता जाल्यार फुडल्या 15-20 वर्सांनी कितेंय जावं येता अशें ह्या तियात्रांत सांगलां. हो तियात्र गोंयकारांक फुडाराचें चिंतपाक लायता आनी जागृत रावपाक प्रवृत्त करता. बिगर गोंयकार नीज गोंयकारां परस चड जाले जाल्यार गोंयांत तांची राजवट चलपाक वेळ लागचो ना अशी शिटकावणी ह्या तियात्रांतल्यान जाहीर जाल्या.

ह्याच तियात्राच्या दुसऱ्या पड्ड्यांत वॅन्की नांवाचें पात्र नदरेक पडटा. हें पात्र खरेपणी बिगर गोंयकार पूण आपली वळख दितना आपूण गोंयचें म्हणून सांगता. ह्या पात्राची कोंकणी उलोवपाची तरा नियाळ्ळी जाल्यार हें पात्र बिगर गोंयकार हें स्पश्ट जाता. देखीक : पेरपेतीनाची घर ही? … हांव गोंयची (4/13) ह्या संवादांनी व्याकरण तपासलें जाल्यार पयल्या वाक्यांत 'घर' हें अलिंग पूण वॅन्की ह्या पात्रान 'घर' हें स्त्रीलींग म्हणून वापरलां. तशेंच वॅन्कीन आपूण दादलो आशिल्ल्या कारणान 'हांव गोंयची' म्हणचे सुवातेर 'हांव गोंयचो' अशें म्हणपाक जाय आशिल्लें. अशे तरेचे व्याकरणीक बांदावळीचो वापर बिगर गोंयकार करतात.

ह्याच तियात्राच्या पांचव्या पड्ड्यांत पुष्पा हें बिगर गोंयकार पात्र लेखकान चित्रीत केलां. हें पात्र शाळेक वता आनी कोंकणी शिकता तें नदरेंत भरता. बिगर गोंयकार कोंकणी भास उलयतात आनी कोंकणी भास शिकतात ही एक तुस्त-तोखणायेची गजाल अशें मत तियात्रांत व्यक्त जालां.

वॅन्की आपलें गोंयकारपण सिध्द करपाक सांगता, "आरे तूं कितें म्हणटी? रेशन कार्ड आसा रे, व्होटींग कार्ड आसा रे... म्हणटोच गोंयची जाली न्हू रे..." (4/13). वॅन्की मूळ गोंयकार नासून ताचे कडेन रेशन कार्ड आनी व्होटींग कार्ड कशें आसूं येता ? अशे तरेचो म्हत्वाचो प्रस्न ह्या तियात्रांत आयला. ह्या प्रस्नाक जाप सोदतना *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत राजकी उमेदवार चिमुलकार आपूण वेंचणूक जिखतलों हाची पुराय खात्री

आसा म्हूण सांगतना सांतू ह्या पात्राक म्हणटा, “गॅरॅण्टी आसा काय म्हूण विचारताय? आरे हांवें ह्या मतदारसंघांत दोनशीं तिनशीं झोपड्यो घातल्यात” (4/164). ह्या संवादांतल्यान बिगर गोंयकारांक रेशन कार्ड आनी व्होटींग कार्ड दिवपाचो उद्देश स्पश्ट जाता. तशेंच *‘गोवा.. गोईंग.. गॉन?’* ह्या तियात्राच्या सव्या पड्ड्यांत शाहा हें पात्र गोंयचे आमदार आनी खासदार अशेच तरेन वागतात म्हणून सांगता. रेशन कार्ड आनी व्होटींग कार्ड बिगर गोंयकारांक दिवप हें सारकें ना हें हो तियात्र उगडापें करता. जे कोण असली दारूण करणी आदारतात तांकां हो तियात्र गोंयचे अस्मितायेचो खून करपी म्हूण पाचारता.

पदेर, रेंदेर, नुस्तेकार, आदी हे गोंयांत आसपावपी तरातरांचे परंपरीक वेवसाय करपी लोक. आदीं गोंयकार हो वावर करताले. आतांच्या काळार (2000) चडसो गोंयकार ह्या वावरा कडेन दुर्लक्ष करून परदेशांत वचपांत गुल्ल जाला. असले परिस्थितींत बिगर गोंयकार गोंयांत कसलोय वावर करपाक लजनात. *‘गोवा.. गोईंग.. गॉन?’* ह्या तियात्रांत लेखकान दाखोवन दिलां की बिगर गोंयकार असलो परंपरीक वेवसाय करतात. होच वावर न्हय तर सगळ्या तरांचो बारीक-माटो वावर करपाचो कॉण्ट्रॅक्ट घेतात. लेखक रोनी ह्या वकिलाच्या पात्रा वरवीं तांच्या वावराची तुस्त करता आनी तांच्या वावराचेर आमचो गोंयचो समाज निंबून आसा अशें सांगतना  म्हणटा, “आयज हे लोक गोंयकारांक गरजेचे आसात. तांच्या आदारा शिवाय आमचो समाज फुडें चलना. म्हजे नदरेन हे लोक गोंयच्या समाजाचो भाग जाला. ते खातीर हांव ह्या लोकांक भायले म्हणिना, वयले म्हणिना, न्हय म्हूण घांटी म्हणिना... हांव तांकां नवे गोंयकार म्हणटां” (4/37-38). गोंयचे परंपरीक वेवसाय बिगर गोंयकार करतात हाका लागून तांकां गोंयची अस्मिताय राखपी आनी सांबाळपी  अशें हो तियात्र दाखोवन दिता.

वॅन्की हें बिगर गोंयकार पात्र पेरपेताच्या घरांत येता ताची खबर वाचूंक मेळटा. शेत विकतें घेवंचे खातीर वॅन्की पेरपेताच्या घरा येवपा फाटलें कारण म्हणून स्पश्ट जाता. पेरपेत आपूण शेतांत वावर करून काळें जाता देखून शेत विकपाक एका पांयार उबें आसता जाल्यार पेरपेताचो घरकार पेरपेताक विरोध करता. आमचीं शेतां विकलीं जाल्यार आमची अस्मिताय काबार जातली असलो विचार पेरपेताचो घरकार व्यक्त करता. पेरपेता असले व्यक्तीक लागून वॅन्की भाशेन कितलेशेच बिगर गोंयकार गोंयांत शेतां-भाटां विकतीं घेवन धनी जाल्ले आसात ताचें वास्तवीक चित्रण ह्या तियात्रांत आयलां.

तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्ले बिगर गोंयकार कोंकणी उलोवपी आनी शाळेंत वचून कोंकणी शिकपी. कोंकणी ही गोंयची अस्मिताय. बिगर गोंयकार हे अस्मितायेचे भागिदार जावपी. कोंकणी शिकून-उलोवन ते गोंयकारपणाचो मान जोडपी. तियात्रांत आसपाविल्ले बिगर गोंयकार रेशन कार्ड आनी व्होटींग कार्ड आशिल्ले मनीस. ह्या अशा तरांच्या बेकायदेशीर दस्तावेजांक लागून ते कायदेशीरपणान गोंयकारपणाचो अभिमान जोडूंक पावतात. हे बिगर गोंयकार सादीं-सादीं कामां करपाक लजेनात; कसलोय वावर करपाक ते तयार. गोंयकार ह्या बिगर गोंयकारांक सामान्यापणान उणाकपणान लेखून तांकां घांटी, वयले, भायले आदी नांवांनी हिणसायता अशें आसलें जाल्यारूय तांच्या वावराचेर पुराय गोंयचो समाज अवलंबून आसा हें विसरूंक जायना अशें तियात्रांतल्यान उगडापें जालां. बिगर गोंयकारांची गरज वळखून तांकां *'नवे गोंयकार'* म्हणून पाचारल्यात तरी पूण तांची वाड पळोवन तांचे पासून सावधान रावपाचो उलो मारिल्लो आसा. लेखकान हें बिगर गोंयकारांचें चित्र पिंतारलां तें योग्यपणीं गोंयच्या बिगर गोंयकारांचें जीवन पडबिंबीत करता.

### 4.3.5 परदेशांत वचपी गोंयकार

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रा विशीं बरयतना तोमाझिन्यु कार्दोज परदेशांत वचपी गोंयकारां विशीं अशें बरयता:

*गोंय स्वतंत्र जावंचे पयलीं जायते गोंयकार आफ्रिकाक वेताले. कांय लोक पुर्तुगेज वसणुकांनी (colonies) वावर करून दुडू जोडटाले जाल्यार कांय गोंयकार ब्रिटीश राज करतल्या वसणुकांनी वेताले आनी आपलो संवसार करताले. गोंय स्वतंत्र जाल्या उपरांत गोंयकार तरणाटे आफ्रिकेच्या देशांनी वचपाचे इल्ले इल्ले कमी जाले कित्याक ब्हारेन, कुवेट, आबू धाबी, दुबाय, मस्कट, आदी ह्या गल्फांतल्या देशांचीं गोंयकारांक दारां उक्तीं जालीं. वचत तो तरणाटो गोंय सोडून गल्फाक वचूंक लागलो* (4/45).

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी आयिल्ले परदेश अशे आसात: आफ्रिका (इन्स्पॅक्टर,1974, 5/152), जर्मनी (इन्स्पॅक्टर,1974, 5/178) अमेरिका, इंग्लंड, जपान, रशिया, स्विडन, हॉलंड, ब्राझील, स्पेन, इटली, स्विझर्लेंड (बोटलेराचें पात्र...आयचो समाज,1975, 3/77), बांगलादेश (इश्ट,1976, 5/54), आफ्रिका-मोझांबीक (अंतस्करण आनी कायदो,1979, 2/89), कुवेट (झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय,1986, 4/67, 104), दुबाय (झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय, 1986, 4/69), कुवेट (म्होंवाळ वीख, 1989, 1/34), इंग्लंड (हॅलो आंकल, 1999), कॅनडा ('गोवा.. गोईंग.. गॉन?' 2000, 4/23) आदी.

वयर नोंद केलां ते प्रमाणें तियात्रांत चित्रीत जाल्ले गोंयकार पुर्तुगेज-ब्रिटीश वसणुकांनी तशेंच गल्फांतल्या देशांनी पाविल्ले आसात तें दिसता. फातिमा दा सिल्व ग्रासियश '*Goans away from Goa. Migration to the Middle East*' ह्या माथाळ्या खाला सोदवार करून म्हणटा, "1954 वर्सा, सुमार 1,80,000 गोंयकार परदेशांत

आशिल्ले" (Gracias). हो आंकडो त्या काळाची गोंयची परिस्थिती दोळयां मुखार हाडटा. लेखकाल्या साबार तियात्रांनी हेच परिस्थितीचें पडबिंब जशाक तशें दोळयां मुखार उबें रावता.

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* हो तियात्र मुखेलपणान परदेशांत वचपी गोंयकारांचें जिवीत चित्रीत करता. खरें झगझगता तें भांगर गोंयांत आनी खास करून गोंयच्या परंपरीक वेवसायांत (नुस्त्याचो धंदो) लिपून आसा अशें ह्या तियात्रांत उजवाडाक आयलां. दुबाय (क्रिस्पीन) आनी कुवेटाक (फोर्सू) वचपी पात्रां ह्या तियात्रांत मेळटात. हीं पात्रां परदेशांत वावर करतना अडचणींत सांपडून परतून गोंयां परततात. हीं पात्रां गोंयां आयले उपरांत परंपरीक वेवसाया कडेन वळटात. तोमाझिन्यु कार्दोज पंच-सरपंच जावंचे पयलीं तांणी परदेशांत वच्चें अशें तांच्या घरच्यांनी सांगिल्लें. (तांचो सासुपाय आनी मामा आफ्रिकेक आसताले हाची खबर पयल्या प्रकरणांत केल्ली आसा.) तांणी परदेशांत वचपाचो निर्णय घेतिल्लो जाल्यार ते आयज आसात त्या स्वरुपांत पळोवपाक मेळपाचे नासले. लेखकान परदेशांत वचपाचो निर्णय न्हयकारलो आनी हें आपलें न्हयकारप युक्त आसा म्हणून दाखोवंक ते आपले बरपावळीचो सहकार घेवन तियात्राच्या माध्यमांतल्यान स्पश्ट करतात.

तियात्रांत चित्रीत जाल्ले परदेशांत रावपी गोंयकार गोंयची अस्मिताय, गोंयची संस्कृताय आनी देवभक्ती करपी गोंयकार. *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत पावलूचो भाव रॉकी आपल्या कुटुंबा सांगाता कॅनडाक आसतालो. रॉकी आपले धुवे बराबर गोंयांत पावता तेन्ना पावलूच्या बायल-भुरग्यांची वागणूक पळोवन निराशी जाता. आपूण कोंकणी उलयता आनी पावलूची घरकान्न सगळो वगत तुटकी-फुटकी इंग्लीश उलयता तें आयकून पावलू आपले घरकान्नीक म्हणटा, "पेरपेतीन, पळोय मुगो म्हज्या भावाक,

कॅनडाक रावन पासून ताणें आपलें गोंयकारपण सोडूंक ना, आपली कोंकणी भास सोडूंक ना... (4/29).

तियात्रांत चित्रीत जाल्ले परदेशांत वचपी गोंयकार आपल्या वावरा खातीर परदेशांत राबितो करपी. असल्या गोंयकारांक आपल्या गोंयचो अभिमान आसा; गोंयची अस्मिताय आनी संस्कृताय तांच्या काळजाचेर छाप मारून आसात असलें चित्रण लेखक करता.

गोंयकार परदेशांत वेतात तांचें जीवन तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी दाखयलां. हे गोंयकार परदेशांत वचपी, तांकां 'गोंय, गोंयकार आनी गोंयकारपण' हें खूब लागींचें आसा तें दिसता. ते आपली संस्कृताय विसरनात, तांकां आपल्या गोंयकारपणा विशीं अभिमान आसा तें नियाळपाक मेळटा. हेच विशीं फातिमा दा सिल्व ग्रासियश *'Goans away from Goa. Migration to the Middle East'* ह्या माथाळ्या खाला उजवाडा हाडिल्ल्या सोदनिबंदांत म्हणटा, "परदेशांत वावर करपी गोंयकार परदेशांत गोंयकारांच्यो संस्था उबारतात. ह्या संस्थां वरवीं फेस्तां-परबो, तियात्र, मांडो आदी हांचे वरवीं गोंयच्या परंपरीक चाली-रितींचें प्रदर्शन करतात. हें सगळें करप म्हणल्यार आपली संस्कृताय सांबाळ असो तांच्या मनांत उद्देश आसता… हेच गोंयकार घरा येवपाचें पासून हे तरेन थारायतात; आपल्याक फेस्तां-परबो, काजारां, आदी मेळचीं अशें तांच्या मनांत आसता" (Gracias). परदेशांत वावर करपी गोंयकारांच्या मनांत असलेच विचार खेळटात तें साबार तियात्रां वरवीं उजवाडाक आयलां.

## 4.4 अस्तुरेचीं रुपां

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी अस्तुरेचीं अनेक पात्रां आयिल्लीं आसात. हांगा सकयल कांय म्हत्वाच्या पात्रांची चिकित्सा केल्या:

### 4.4.1 अशिक्षीत आनी शिक्षीत

*'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत शाळेंत वचपी चली जाल्यार *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत दोन तरणाट्यो चलयो महाविद्यालयाचें शिक्षण घेतात. *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत डॉ. नॅन्सीचें पात्र मेळटा तशेंच *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांत फ्रिडा हें पत्रकाराचें पात्र आसपावलां. हीं पात्रां नियाळ्ळीं जाल्यार तांणी आपलें मुळावें शिकप करून उंचेलें शिक्षण घेतिल्लें आसा तें थावें जाता. अशे तरेन तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी अस्तुरेक चडशी शिक्षीत रुपांत चितारल्या. कांय फावटीं अस्तुरे पात्रांचें शिक्षण कितलें तें पारखुपाक कठीण जाता तर कांय फावटीं संवादांतल्यान सहजपणीं स्पश्ट जालां. अशिक्षीत अस्तुरीय आसा. देखीक, *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांत माग्दूक आपल्या परदेशांत आशिल्ल्या घरकाराची चीट येता. तिका ती चीट भुरग्यां कडल्यान वाचून घेवची पडटा. भुरगीं ही चीट वाचपा खातीर हुज्जत करतात तेन्ना माग्दू सुस्कारता, "तुमच्यो उजोती बोंध कोरात पोळोयतां. जॅरी सोडसोडीत वाच पोळयतां. हांव तर दोन गोंटां शिंकलोली जाल्यार...." (1/6). माग्दूक आपूण शिकूंक ना देखून पश्चयाताप जाता तें ह्या संवादांतल्यान स्पश्ट जाता.

एक काळ आसलो जेन्ना अस्तुरेन शिकप करचें न्हय, तिणें फकत घरा रावचें, घरांतलो वावर करचो वा हेर वावरांत गुल्ल जावचें अशे मानताले. समाज तिचेर तशें बंधन घालतालो. माग्दू, कोन्सू, फुलू आनी मारी हीं तियात्रांत आयिल्लीं वेगळीं वेगळीं पात्रां ह्याच बंधनाचो प्रभाव प्रगट करतात.

काळ जसो बदलता तसो समाजूय बदलत वता. आतांच्या काळार शिक्षणीक मळार अस्तुरेन बरीच प्रगती केल्ली दिसता. उंचेलें शिकप घेवपा खातीर पुराय भारतांत अस्तुरेच्या संदर्भांत गोंयाक पयलो क्रम (61.2%) आसा, अशें *'Goa women top higher education enrolment'* ह्या माथाळ्या खाला आशिल्ल्या लेखांत मेळटा.

उंचेलें शिकप घेतात त्यो आनी तें पूर्ण केलां त्यो अस्तुऱ्यो तियात्रांनी दिसतात. नॅन्सी (*कांटेच कांटे*) वैजकी शिक्षण पूर्ण करता जाल्यार फ्रिडा (*म्होंवाळ वीख*) पत्रकारितेचें शिक्षण पूर्ण करता. गोंयच्या समाज जीवनांत अस्तुरी शिक्षण घेवंक लागल्या आनी वेगवेगळ्या मळांचेर वावरूंक लागल्या हाचें पडबिंब तियात्रांनी दिसता.

### 4.4.2 समाज सेविका

*'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'*, ह्या तियात्रांत समाज सेविकेचो विशय आयला. ह्या तियात्रांत 'बारबोजा' हे समाज सेविकेचें जीवन लेखकान केंद्रस्थानार दवरलां. बारबोजाक तर समाज सेवा करपाक राज्य पुरस्कार आनी उपरांत राष्ट्रीय पुरस्कार पासून लाबता.

"त्या काळार जायत्यो अस्तुऱ्यो समाजीक वावर करुंकूय फुडें येताल्यो. ग्राम पंचायतीच्या वेंचणुकेंतूय भाग घेतालीं. थोडक्यांत आपल्या घरांतल्या वावरा शिवाय समाजीक वावरांत आपलें योगदान दिताली" (3/3) अशें तोमाझिन्यु कार्दोज *'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'* ह्या तियात्रा विशीं बरयतना सांगतात.

गोंयांत कोमुनिदाद वेवस्थेंत फकत दादले प्रशासन चलयताले. अस्तुरेक हे वेवस्थेंत कांयच हक्क नासले. ह्याच कारणाक लागून अस्तुरी समाज सेवेच्या वावरांत दिसनासली. समाजीक वावरांत दादलेच वावुरताले.

गोंय सुटके उपरांतच्या काळांत महिला आपल्याचेर जातले अनितीक लागून आनी आपले हक्क मेळोवंक संघर्श उबारपाक लागल्यो. ह्याच संबंदान 1986 वर्सा *'बायलांचो साद'* हे संस्थेचो आरंभ जालो. ह्या काळार साकून साबार अस्तुऱ्यो समाजीक वावरांत मिसळ जावपाक लागल्यो. *'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'* हो तियात्र

1986 वर्सा माचयेर आयला आनी ह्याच काळाचें दर्शन घडयता. समाज सेवेच्या मळार अस्तुऱ्योय बरो वावर करतात हें लेखकाच्या कांय तियात्रांनी चित्रीत जाल्लें आसा.

### 4.4.3 राजकी फुडारी

*'समाज सेवा', 'आमी सगळे एक', 'नोवी दिशा', 'कांटेच कांटे'* हे तोमाझिन्यु कार्दोजाले तियात्र राजकी संदर्भ घेवन येतात. ह्या तियात्रांनी राजकी फुडाऱ्यांचीं पात्रां आयल्यांत. *'नोवी दिशा'* तियात्रांतली अस्तुरी मार्गारिदा हें पात्र सोडलें जाल्यार उरिल्लीं सगळीं पात्रां दादल्यांचीं. मार्गारिदा वेंचणूक लडयता आनी जैतीवंत जाता तें दिसता.

गोंयांत 1963 वर्सा विधानसभेची पयली वेंचणूक जाली. हे वेंचणुकेंत उर्मिंदा मास्कारेन्यश द लीम लैतांव ही पयली अस्तुरी जिखून आयली. तिचे उपरांत एलु. मिरांद, शशिकला काकोडकार, आदी अस्तुऱ्यो वेंचणूक जिखल्यात. मार्गारिदा ह्या पात्रा वरवीं गोंयांत कितल्योश्योच अस्तुऱ्यो राजकारणांत भागिदार जाल्ल्यो तांचेंच हें पात्र प्रतिनिधित्व करता तें थावें जाता.

### 4.4.4 भ्रश्टाचाराक विरोध करपी

*'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांतली अस्तुरी (शर्ली) भ्रश्टाचाराक विरोध करपी अशें दिसता. शर्ली हें तरणाटें देशाचें बरें चिंतपी स्वभिमानी पात्र. आपल्या देशांत आशिल्लो फटींगपणाचो सांवार काबार जावंचो असो आंवडो बाळगून जगपी. भ्रश्टाचारान आनी ढोंगीपणान चलपी हांकां दोळयां मुखार नाका म्हणपी, आपल्या मतदारसंघांत प्रमाणीकपणाचीं आनी सताची पावलां उबारूक पोटतिडकीन वावुरतना दिसता. हो असलो धाडशी वावर करपांत तें येसस्वीय जावंक पावता.

2011 वर्सा भारतांत अण्णा हजारेन एक म्हत्वाची चळवळ चालीक लायिल्ली. ही चळवळ शर्ली ह्या पात्रा वरवीं उजवाडाक आयल्या.

### 4.4.5 शिंदळकी करपी

*'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांत लेखकान फातिमाचें पात्र चित्रायलां. फातिमाचो बापूय अपघात जावन घरांत व्हिलचॅराचेर आसता. ताच्या वखदांक लागून पयश्यांची भरपूर गरज लागता. फातिमाचो काजार जाल्लो भाव. आपणाच्यान  ही गरज पूर्ण करूंक जमता आसतनाय बायलेच्या सांगण्या वरवीं  न्हयकारता. असले परिस्थितींत फातिमा आपल्याक खंयच काम मेळना म्हणून आनी बापायच्या वखदां-इलाजाक पयश्यांची गरज आसा म्हणून जाणून वांकडो उपाय काडटा. हो वांकडो उपाय म्हणल्यार शिंदळकी करपाचो. *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांत पुत्तुस्वामी हें पात्र पर्यटक कसो गोंयांत पावता तेन्ना टुरिज्माक आपल्याक भोग घेवपा खातीर कॉलेज गर्ल्स हाडपाक सांगता. गोंयच्या समाजांत जी शिंदळकी चलता ताचें चित्र ह्या तियात्रांनी पळोवंक मेळटा.

### 4.4.6 एवेचे आनी मारियेचे रूपकार

एवे वरवीं संवसारांत पातकाची सुरवात जाली आनी मारिये वरवीं संवसाराक दयाळाय चाखूंक मेळ्ळी, अशी पवित्र पुस्तकांत शिकवण मेळटा.

माग्दू (*म्होंवाळ वीख*) पयश्यांचे आशेक लागून वायट चाल आपणायता. बारबोजा (भुरगीं आमचीं गिरेस्तकाय) आपल्या भुरग्यांक फावो तो वेळ आनी मोग दिवंक भोव फाटीं उरता, अशे तरेन वायट देख जाता. रोजा (अर्थ) आपले पिडेंत आशिल्ल्या घरकाराची सेवा करूंक विसरता. मिलाग्रीन  (दिता तशें घेता) आपल्या घरकाराचेर हुकूमशाय चलयता आनी आपले धुवेकूय तशेंच वागूंक लायता. मारी (अंतस्कर्ण आनी

कायदो) आपल्या पुताचें आयकून आपल्या अंतस्कर्णाचेर शेण काडपाक पावता. हे सगळे एवेचे रूपकार खुणायतात.

फुलू (उतरां आनी करण्यो) दुसऱ्या सवें दयाळ-म्होंवाळ सभावान जगता. कोन्सू (झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय) आपल्या घरकाराची मोगान सेवा करता आनी घरच्यां खातीर बरेपण करता. हीं पात्रां मारियेचो रूपकार घेवन येतात.

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांतलीं अस्तुरी पात्रां नियाळांत घेतलीं जाल्यार चडशीं पात्रां एवेचें रुपडें घालतात जाल्यार कांय फावटीं मारियेचें न्हेसण घालतात. समाज जीवनांत तेंच चित्र दिसता.

### 4.4.7 ढोंगी

*'अर्थ'* तियात्रांत रोजा नांवाचें पात्र लेखकान पिंतारलां. हें पात्र देवभक्ती करपी. दिसाक दोन मिसांक पासून वचून तातूंत वांटो घेवपी. घरांत चुकयनासतना तेर्स-मागणें करपी. कोण मिसाक वचनात आनी तेर्स-मागणें करिनात तांची वासपूस करून तांकां देव-धर्म पाळूंक सांगपी. आपली देवभक्ती फुडें व्हरतना रोजा धर्म-दान करता, पिडेस्तांक भेट दिता पूण आपल्याच घरांत पिडेंत आशिल्ल्या घरकाराची सेवा करूंक फाटीं रावपी अशे तरेची अस्तुरी. रोजा मरून निमाणे झडटेक उबें रावता तेन्ना देव ताका एकूच वस्त सांगता, "रोजा, संवसारांत तुवें केलां तें रोजार न्हय, ती प्रार्थना न्हय, पूण तें एक सवंग आसलें. तुज्या घरांत तुजो घोव, आरेचे पिडेंत वळवळटालो. तुज्या खास घोवाची माये मोगान सेवा केल्ली जाल्यार, तीच की खरी देवभक्ती जातली आसली…" (2/154). समाजांत कांय जाणां अशीं आसतात तीं रोजा भाशेन सदांच मिसाक वतात पूण घरा पावले उपरांत मिसांत जी शिकवण मेळयल्या ते शिकवणेचे उरफाटें जिवीत जगतात. कांय मनशां अशींय आसतात जीं रोजा भाशेन सदांच घरांत चुकयनासतना तेर्स-मागणें

करतात पूण तो तेर्स जाले उपरांत घरांत एकामेका कडेन शांती करूक फाटीं रावतात. समाजांत  असलींय मनशां आसात जीं रोजा भाशेन धर्म-दान करपाक फुडें आसतात पूण हें करतना जे तरेन  रोजा आपल्याक मान मेळोवपा खातीर  लोकांक दाखोवन देणगी दिता; ते संबंदीं पवित्र पुस्तक म्हणटा, "तुजो उजवो हात कितें करता तें तुज्या दाव्या हाताक कळचें न्हय" (पवित्र पुस्तक: नवो करार, मा. 6.3). तशेंच समाजांत कांय मनशां लेजांव मारियेचे वांगडी जाल्ल्यान नियमीत पिडेस्तांक भेट दितात पूण आपल्याच घरांत आशिल्ल्यांचीं सेवा करपाक पयस रावतात. 'हतयाचे दाखोवंचे दांत वेगळे आनी खावंचे दांत वेगळे' अशी ही ओपार रोजाक लागू जाता. रोजा भायल्यान आपूण प्रमाणीक म्हणून दाखयता आनी भितरल्यान ढोंगीपणान भरिल्लें दिसता. रोजा भाशेन वागपी समाजांत कितलींशींच जाणां आसतात. लोकां मदल्या असल्या ढोंगीपणाचें पडबींब ह्या तियात्रांत दिसता. समाज जीवनांत बरें आसा तशें वायटूय आसा हाची जाणविकाय लेखक करून दिता

**4.4.8  कुटुंबीक आनी समाजीक**

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या 1994 वर्सा पयलींच्या तियात्रांतली अस्तुरी चडशी मोगिका आनी सून-सासुमांय ह्या स्वरुपाची आसा. तांच्या मागीरच्या (1994 वर्सा उपरांत) तियात्रांनी ही अस्तुरी कुटुंबीक रुपाची फास्की मोडून समाजीक अस्तुरेचें रूप घेतिल्ली दिसता. देखीक नॅन्सी एक दोतोर, फ्रिडा एक पत्रकार, बारबोजा एक मंत्री, शर्ली सत्ता आनी निती खातीर संघर्श करपी पात्र आदी.

समाजांत ह्या दोनूय स्वरुपांची अस्तुरी आसा तिचें पडबिंब लेखकाल्या तियात्रांनी दिसता.

### 4.4.9 तरणाटे अस्तुरेचें रूप

लेखकाच्या कांय तियात्रांतली अस्तुरी तरणाटे पिरायेंतल्या जिविताचें दर्शन घडयता. तरणाटे पिरायेचे अस्तुरेन समाजांत विशेश कामगिरी केल्या आनी करीत आसा. हीच तरणाटे पिरायेची अस्तुरी वायट दिशेन पावलां उबारतना दिसता. तरणाटी अस्तुरी दोतोर, पत्रकार, समाज सेविका, निती-सता खातीर झुजपी, अशी दिसता. तेच बराबर ताणें चित्रायिल्ली अस्तुरी घुंवळे-वखदांक बळी पडल्या, बेमर्यादेचें न्हेसण घालता, लग्ना आदीं कुडीचो भोग घेता (माग्दूची धूव:लिंदा), गर्भेस्त जाता (बारबोजाली धूव: ब्रॉण्डा). अशे तरेन लेखकान तियात्रांनी गोंयच्या समाजांत  तरणाटे पिरायेच्यो कांय अस्तुऱ्यो कश्यो आसात त्यो जश्या तश्यो चित्रायल्यात.

### 4.4.10 वावर-धंदो

कांय तियात्रांनी फुलू (*उतरां आनी करण्यो*), सेराफीन (*अर्थ*) आनी कोन्सू (*झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय*) असल्यो नुस्तें विकपी अस्तुऱ्यो मेळटात. *'कांटेच कांटे'* तियात्रांत नॅन्सी दोतोर, *'म्होंवाळ वीख'* तियात्रांत फ्रिडा पत्रकार आनी माग्दू पर्यटना संबंदींचो धंदो चलयता आदी. अशे तरेन अस्तुऱ्यो वेगवेगळया वेवसाय-धंद्यांनी दिसतात. ह्यो अस्तुऱ्यो समाजांत आशिल्ल्या अस्तुऱ्यांचींच रुपां. ह्या विशयांत लेखकान समाज जीवना मुखार हारसो धरून जें आसा तें दाखयलां अशें म्हणूं येता.

तियात्रांनी चित्रीत जाल्ली अस्तुरी कांय प्रमाणांत अशिक्षीत जाल्यार चडशी शिक्षीत स्वरुपाची आसा. तियात्रांत आकाराक आयिल्ली अस्तुरी समाज सेवा करपाक फुडें सरिल्ली आसता आनी तशीच राजकी मळार आपलें अस्तित्व दाखयता ताचें चित्रण आयलां. लेखकान प्रदर्शीत केल्ली अस्तुरी कांय कडेन भ्रश्टाचाराक बळी पडिल्ली दिसता जाल्यार कांय फावटीं भ्रश्टाचारा आड संघर्श उबारपी कशी दिसता. तियात्रांत चित्रीत जाल्ली अस्तुरी गरजेक सांपडून आपूण जावन शिंदळकेचो मार्ग आपणायता

जाल्यार कांय फावटीं दादलो तिचेर बळजबरी करतना नदरेक पडटा. तियात्रांतलीं अस्तुरी पात्रां नियाळांत घेतलीं जाल्यार चडशीं पात्रां एवेचें रुपडें घालतात जाल्यार कांय फावटीं मारियेचें न्हेसण घालतात तें उजवाडाक आयलां. 1994 वर्सा उपरांतच्या लेखकाच्या तियात्रांनी कुटुंबीक स्वरुपाची अस्तुरी म्हणल्यार मोगिका आनी सून-सासुमांय ह्या रुपांची फास्की मोडून समाजीक अस्तुरेचें रूप घेतिल्ली दिसता. लेखकान तरणाटे अस्तुरेक पिंतारतना तिच्या बऱ्या वायट गुणां सयत दाखयल्या. लेखकान चित्रीत केल्ली अस्तुरी वेवसाय-धंद्यांतल्या अनेक रुपांनी वावुरता.

### 4.5 दादल्यांचीं रुपां

तोमाझिन्यु कार्दोजान 2021 वर्सा मेरेन 40 तियात्रांची रचना केल्या. ह्या तांच्या तियात्रांनी दादल्यांचीं अनेक पात्रां आसात. ह्या सगळ्या दादल्या पात्रांचीं रुपां हाताळटना देखी म्हणून फकत कांय म्हत्वाचीं पात्रां हांगा अभ्यासाक घेतल्यांत.

#### 4.5.1 शिक्षीत

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी दादल्यांचीं अनेक पात्रां आसपावल्यांत. हीं पात्रां चड करून शिक्षीत वर्गांतलीं म्हणून दिसतात. *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत विनोद हें शिक्षकाचें पात्र चित्रीत जालां. हेच तरेन *'काळोख आनी उजवाड'* तियात्रांत दोतोर आनी आदवोगाद अशीं पात्रां आसात. तशेंच साबार तियात्रांनी पुलीस अधिकाऱ्यांचीं पदां चित्रीत जाल्लीं आसात. शिक्षक, दोतोर, आदवोगाद, पुलीस अधिकारी हीं सगळीं पात्रां ध्यानांत घेतलीं जाल्यार त्या त्या पात्रांक लागू जावपा सारकें शिक्षण तांणी घेतलां हें अपेक्षीत आसा.

गोंयचे लोकसंख्यागणने प्रमाण 2001 वर्सा 88.42% जाल्यार 2011 वर्सा 92.65% अशी शिक्षीत दादल्यांची आंकडेवारी आसा. गोंयचे दादले खूब प्रमाणांत शिक्षीत

आसात हें ती आंकडेवारी दाखोवन दिता. लेखकान शिक्षीत दादल्यां संबंदीं जी स्थिती पडबिंबीत केल्या ती गोंयचे परिस्थिती कडेन जुळटा (Census 2011).

### 4.5.2 बरे आनी वायट समाज सेवक

लेखकाच्या तियात्रांनी दादल्यांचीं साबार पात्रां समाज सेवकांच्या रुपान आसपावल्यांत. *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत विनोद हें पात्र समाज सेवा करूंक म्हेनतीन वावुरता. *'उतरां आनी करण्यो'* ह्या तियात्रांत नितीन समाज सेवा करूंक आपलें जिवीत खर्चिता. *'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांतलो डिक्रूज, *'सांखळ्यो'* तियात्रांतलो भानगोडकार, *'अर्थ'* तियात्रांतलो दामू हे सगळे समाज सेवक समाज सेवेच्या नांवान समाजाचें पाड घालतात.

समाजांत दोन तरांचे समाज सेवक दिसतात. एकलो खऱ्या मनान आनी मोगान समाजाची सेवा करता जाल्यार दुसरो समाज सेवेच्या नांवान आपल्याच फायद्याचें चिंतून वागता. लेखकाच्या तियात्रांनी हे दोनूय तरांचे समाज सेवक चित्रीत जाल्यात.

### 4.5.3 राजकी फुडारी

कांय तियात्रांनी राजकी फुडाऱ्यांचीं चड करून दादल्या स्वरुपाचीं पात्रां आयल्यांत. *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत रोपोजो आनी चिमुलकार  हे राजकी फुडारी आपल्याक मतां मेळोवन घेवच्या हेतान गोंयच्या दोन समाजां (हिंदू आनी क्रिस्तांव) मदें फूट घालतात जाल्यार *'काळोख आनी उजवाड'* तियात्रांत नितिदार आनी दोतोर हे राजकी उमेदवार आपल्याक मतां मेळोवपा खातीर दोन समाजां मदें एकचार बांदपाचें ढोंगीपण करतात. *'समाज सेवा'* तियात्रांत रापोजो हो राजकी फुडारी भौशीक विकासाच्या नांवान आपल्याच घरच्यांचो विकास करता जाल्यार *'कांटेच कांटे'* तियात्रांत विनोद हो राजकी फुडारी समाजाच्या विकासा खातीर प्रमाणीकपणान आनी

सतान चलपाक सोदता; पूण हेर भ्रश्टाचारी राजकी फुडारी ताचे वाटेंत आडखळींचे फातर जातात. *'सांखळ्यो'* तियात्रांत मंत्री हें पात्र तशेंच *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत कोरदेरो (मंत्री) भ्रश्टाचाराचे सांखळेक घुसपून आसा तें चित्रीत जालां. अशे तरेन लेखकान कितलेशेच दादले राजकी फुडारी दाखयल्यात. हे सगळे राजकी फुडारी गोंयच्या समाजांत दिसतात तसलींच रुपडीं तियात्रांनी मेळटात.

### 4.5.4 सताचे आनी फटीचे प्रचारक

*'सांखळ्यो'* तियात्रांत ब्रागांजा नांवाच्या सुटके झुजाऱ्याचें जिवीत चित्रायलां. हो सुटके झुजारी गोंयची परिस्थिती पळोवन निराश जाता. ब्रागांजा म्हणटा, "शी, शी, शी... कितें जालां म्हज्या ह्या गोंयचें? नीत म्हणलली झोळकेक येना. सत म्हणललें सोदल्यार मेळना. खंय वेता हें म्हजें गोंय?" (2/193). कोन्सू ही ब्रागांजाची शेजान्न. भानगोडकार हो बिल्डर कोन्सूची जमीन भानगडी करून आपल्या नांवार करता आनी ते जमनीर बिल्डींग बांदपाचो वावर सुरू करता. अशा वेळार ब्रागांजा कोन्सूक फटींगपणा आड झुजपाक सगळो सहकार दिता. भानगोडकाराचे भानगडींत तलाठी, सरपंच आनी मंत्री पासून भागाक आसतात. अशें आसतना पासून ब्रागांजा सता खातीर झुजपाक फाटीं रावना. *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांतूय विनोद आपल्या मंत्री मंडळाची बसका जाता तेन्ना सताची बाजू मांडपाक फाटीं रावना.

समाजांत दोन तरांच्यो व्यक्ती मेळटात. एक सताचो पाखो घेवपी आनी दुसरी फटीचो. ह्या प्रबंधा खातीर घेतिल्ल्या तियात्रांनी दोनूय तरांचीं पात्रां मेळटात. ब्रागांजा आनी विनोद हे सत उखलून धरतात, जाल्यार भानगोडकार आनी विनोदा बराबरचे मंत्री फटीचो पाखो घेवन जगतात. समाज जीवनांतलें हें चित्र वास्तव रुपान तियात्रांनी आयलां.

### 4.5.5 कामवासनी

कांय तियात्रांनी दादल्या पात्रांचो तरेकतरांचो सभाव दिसता. *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांत पुत्तुस्वामीचें पात्र लेखकान उबें केलां. पुत्तुस्वामी गोंयांत पर्यटक कसो येता. तो टुरिजमाक म्हणटा, "... हे मिस्टर हे देखो यहाँ लडकियाँ मिलता हैं?" (1/20). *'अर्थ'* तियात्रांत दामू हें पात्र मेले उपरांत पासून शिंगांकाराक विचारता "आगा, मातसो असो यो गा, (दामू शिंगांकाराक कुशीन व्हरता) एक सांग हांगा (नाकाक बोट लावन) हें मेळटा? सांग मुगा, हांगा हें मेळटा?" (2/142). *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांत लेखकान जॉनीचें पात्र पिंतारलां. हो जॉनी कितल्याश्याच चेडवां लागीं बळजबरी करून भोग घेता आनी तांकां आवयपणाच्या भेसार पावयता. हेच संबंदीं जॉनी मारिया कडेन बळजबरी करतना म्हणटा, "मारिया, बाजारांत नवीं-नवीं चेपीं आयलीं म्हणटकच सगळयां परस पयलें माथ्याक घालपाचें काम म्हजें आसता. म्हणटकच तूंच काय बरें सोबीत सुंदर चेपें म्हज्यान घालिनासतना कशें रावं येता?" (5/34).

समाजांत कांय दादले अशे आसतात जे भोग घेवपा खातीर कितलेय पयशे दिवपाक तयार आसतात जाल्यार कांय मनीस अशेय आसतात जे अस्तुरेचेर बळजबरी करून आपलें काम सादोवपाक सोदतात. जॉनी, पुत्तुस्वामी आनी दामू ह्या पात्रां वरवीं समाज जीवनांतलें कामवासनेचें रूप दादल्या संबंदान लेखकान पडबिंबीत केलां.

### 4.5.6 अपंगूळ

कांय तियात्रांनी अपंगूळ दादल्यांचीं चित्रणां आयल्यांत. पास्कू (दिता तशें घेता), रॉक (इश्ट), बॅनी (भुरगीं आमची गिरेस्तकाय) तशेंच ज्याकी (झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय) ह्या तियात्रांतलीं हीं कुड्डीं पात्रां. *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* (पावलू) आनी *'अर्थ'* (रोजाचो घरकार) ह्या तियात्रांतलीं पात्रां आरीच्या दुयेंसाक बळी पडिल्लीं आसात.

*'उतरां आनी करण्यो'* तियात्रांतलो नितीन एका पांयान पांगळो आसता जाल्यार *'एक्सिडण्ट'* तियात्रांत ज्योकींचें पात्र घरांत व्हिलचॅराचेर आसता. ह्या पात्रां वरवीं अपंगूळ दादल्यांचे जिणेचेर लेखकान उजवाड घाला.

समाजाचें चित्रण करतना समाजांत जें कितें आसा तें तशाक तशें दाखोवपाचो यत्न ह्या तियात्रांनी जाला. अपंगूळपण हें दुबळेपण. दादल्यां मदीं घटमूट मनीस आसतात तशेच कुडीन दुबळे जाल्लेय कांय जाण आसतात हें समाजांतलें सत ह्या तियात्रांनी दिसता.

### 4.5.7 सोंशीक दादलो

*'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत तोमाझिन्यु कार्दोजान पास्कूचें पात्र उबें केलां. हो पास्कू भाटकाराच्या घराक उजो लागता तेन्ना जीव संकश्टांत घालून भाटकाराचे धुवेक उज्यांतली सालवार करता. ही धाडशी करणी करतना ताचे दोळे ना जातात आनी तो जिवीतभर कुड्डो जाता. ह्या कुड्डेपणांत आसून पासून आपल्या पुताक (एलॅक्स ) तो ल्हानाचो व्हड करून ताका काजार करता. काजार जाले उपरांत आपल्याक आपले सुनेक (फॅल्सी) लागून थोडो सुसेग मेळटलो अशें तो चिंत्ता. फॅल्सी आपल्या कुड्डया सासुपायक सतावपाक सुरू करता. तो कुड्डो हें जाणा जावन पासून फॅल्सी ताका रांदप-शिनप करूंक लावचे लावन आपल्याची चाकरी करूंक फर्मायता. पास्कू हें सगळें मोन्यांनी सोंसता. ताका आपल्या पुताचें काजार मोडपाक नाका देखून तो खूब सोंशीक जाता. लेखकान दादल्यांचीं पात्रां विणटना तांचे भितर खूब प्रमाणांत सोंशीकसाण दर्शीत केल्या.

### 4.5.8 नायक आनी खलनायक स्वरुपी

विनोद (कांटेच कांटे), मायकल आनी रवी (आमी सगळे एक), फॅलिक्स (समाज सेवा), नितीन (उतरां आनी करण्यो), ब्रागांजा (सांखळ्यो), पास्कू (दिता तशें घेता), ज्याकी

(झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय) ह्या दादल्या पात्रांक तोमाझिन्यु कार्दोजान नायक ह्या रुपान चित्रीत केल्यात. आनी रापोजो (समाज सेवा), डिक्रूज (आयचो समाज), रॉक (उतरां आनी करण्यो), डिसौजा (हांवूच तो), इन्स्पॅक्टर (इन्स्पॅक्टर), ज्योकी (अंतस्करण आनी कायदो) हीं मुखेल पात्रां खलनायक स्वरुपाचीं आसात. दोनूय तरांचे मनीस समाजांत वावुरतात हें समाज जीवनांतलें एक सत. तें वयर उल्लेख केल्ल्या तियात्रांनी स्पश्टपणान आयलां.

### 4.5.9 वेग वेगळ्या वेवसायांनी

तोमाझिन्यु कार्दोजान साबार तियात्रांनी वेग वेगळ्या वेवसायांतलीं पात्रां घेतल्यांत. हीं पात्रां अशीं: नुस्तेकार (गोवा.. गोईंग गॉन?), पदेर (गोवा.. गोईंग गॉन?), दोतोर (काळोख आनी उजवाड ...), तारवटी (आयचो समाज), शिक्षक (कांटेच कांटे), पत्रकार (अर्थ), इंस्पेक्टर जनरल ऑफ पुलीस, सुप्रिटेण्डट ऑफ पुलीस, डॅप्युटी सुप्रिटेण्डट ऑफ पुलीस, इंस्पेक्टर, सब इंस्पेक्टर, हेड कोंस्टबल, हवालदार, (इंस्पेक्टर) पोस्टमॅन ( झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय), कम्पांवण्डर, रांदपी वा कुजनेर (अर्थ), मेजर जनरल (इश्ट), दुदकार (कांटेच कांटे), आय. जी. पी. (दिता तशें घेता), आदी. वेग वेगळ्या वेवसायांतले दादले समाजांत आसतात. तें समाज जीवनाचो वांटो आसा. तांच्या चित्रणांतल्यान समाज जीवनाचें रूप अदीक स्पश्ट जालां.

### 4.5.10 भोगसणें दिवपी

*‘झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय’* ह्या तियात्रांत लेखकान ज्याकीचें पात्र रंगयलां. हो ज्याकी एक नुस्त्याचो व्यापार करपी. आपल्या वावराचो ताका अभिमान आसा. तो भावाच्या लग्नाच्यो राटावळी करतना अपघात जावन कुड्डो जावंक पावता. दोळ्याच्या इलाजा खातीर पयश्यांची खूब गरज आसा देखून भावा आनी भयणी कडेन

व्हड अपेक्षेन तो पळयता पूण तीं पयशे दिवपाक राजी जायनात; वयल्यान नुस्त्याच्या व्यापाराचे लजेक लागून घर सोडून वचपाची वाट काडटात. भयण न्हवऱ्याचें आयकून एका फ्लॅटांत रावता आनी भाव बायलेचें आयकून फ्लॅटांत रावता आनी कुवेटाक वता. वच्चे पयलीं आपणाक पडटलें त्या भांगराचो वांटो मागूंक तीं फाटीं रावनात. खरें म्हणल्यार ज्याकीच्या प्रसंगा वेळार तांणी सहकार आनी सांगात दिवपाक जाय आसलो कारण ह्याच कुडड्या भावान तांचे पासत खूब केल्लें हें सगळें विसरून तीं बदमास जातात. फुडें मागीर दोतोराच्या बरेपणाक आनी उदारपणाक लागून ज्याकीचो इलाज जाता आनी ताका परतून दिसपाक लागता. ज्याकी आपल्या धंद्यांत नवे नवे मार्ग काडून धंदो फुलोवपाक पावता. कांय वर्सांनी भयणीचो न्हवरो कुवेटाक बंदखणींत पडटा आनी भाव भिकारी कसो गोंयां परतता. अशा वेळार हीं भाव आनी भयण ज्याकी कडेन भोगसणें मागूंक फुडें सरतात आनी ज्याकी तांकां उदार मनान भोगसणें दिता. अशेच तरेन *'उतरां आनी करण्यो'* तियात्रांत नितीन हें पात्र आपल्याक दुखापत पावयिल्ल्या भावाक भोगसणें दिता. खरें म्हणल्यार भोगसणें दिवप तितली सोंपी गजाल न्हय तरी पूण ज्याकी आनी नितीन हीं पात्रां भोगसणें दितात. समाजांत भोगसणें दिवपी बरे मनीस आसतात हांचेंय चित्रण लेखकान केलां.

लेखकान पडबिंबीत केल्ले दादले चडशे शिक्षीत आसात. खऱ्या मनान समाजाची सेवा करपी आनी समाज सेवेच्या नांवान आपल्याच फायद्याचें चिंतून वागपी अश्या दोनूय तरांच्या समाज सेवकांचें जीवन चित्रीत जालां. चडशे दादले लोकप्रतिनिधी भ्रश्टाचारांत भरसल्ले आसात. सताचो प्रचार करपी आनी दुसरे फटीचो पाखो घेवपी अश्या दोनूय तरांच्या दादल्यांचें चित्रणूय आयलां. समाजांत जे कामवासनी दादले आसात तांचीं रुपां चित्रीत जाल्यांत. दादल्यांचीं पात्रां खूब प्रमाणांत अपंगूळ आसात. हाचेच वांगडा दादल्यां मदलीं खूब प्रमाणांत सोंशीकसाण दिसता. समाजांत आशिल्ल्या दादल्याचो

नायक आनी खलनायक असो सभाव पडबिंबीत जाला. वेग वेगळ्या वेवसायांतल्या दादल्यांच्या पात्रांचेंय चित्रण आयलां.

## 4.6 निश्कर्श

लेखकान चित्रायिल्लीं घरकार-घरकान्नीचीं पात्रां गोंयच्या क्रिस्तांव समाजांतलीं म्हणून कळटा. कांय पात्रां काजारा दिसा दिल्ली भासावणी पाळटात जाल्यार कांय पात्रां पाळिनात हेंय दिसता. संयुक्त कुटुंबां विभक्त कुटुंबांत बदलतात ताचेंय चित्रण मेळटा. पडबिंबीत केल्लीं घरकान्नींचीं पात्रां चडशीं हुकूम करपी सभावाचीं आसात जाल्यार कांय घरकारांचीं पात्रां बायलभित्र्या सभावाचीं आसात हाचें चित्रण जालां.

पालक आपल्या भुरग्यांक बरे चाली-रितीन, देखीन, तत्वां-मुल्यांनी आनी बरे संस्कार दिवपाचें आपलें कर्तव्य पाळटात तें लेखकाच्या तियात्रांनी दिसता.

आवय आपलें आवयपणाचें कर्तव्य पाळटना कमी पडल्या तें नदरेक पडटा आनी बापूय आपलें बापूयपण पाळटना अपंगूळ आसता तेंय पळोवपाक मेळटा. भुरग्यांक आवय कडल्यान गुणात्मक वेळ मेळना जावन भुरगीं वायट दशेर पावतात ताचें चित्रण आयलां. कांय पालक अशे आसात जांकां सत कितें आनी फट कितें हें बेस बरें समजता तरी पूण तें आपल्या भुरग्यांचे वायट चालीक भुलून वतात. तांकां निटायेर हाडचे परस आपुणूच वाट चुकतात आनी तांच्या फटींगपणांत भागिदार जातात ही समाजीक परिस्थिती लोक-जिणेंत रिगल्या हे खरपणान जाणवता.

1964 ते 1994 वर्सा आदीं बरयिल्ल्या तियात्रांनी मोगी-मोगिकेचो विशय खूब प्रमाणांत दिसता पूण उपरांतच्या तियात्रांनी मोगाचो विशय उणो जाला वा ना जाला.

*'मोग कुड्डो, मोगाक दोळे आसनात'* अशी जी म्हण आसा, ते म्हणी प्रमाण घडटा हें साबार तियात्रांनी दिश्टी पडटा. तियात्रांनी दिसता तो मोग धर्म-धर्माचें बंदन पळयना, जाती-कातीचो भेदभाव मानिना, गरीब-गिरेस्त अंतर करिना. मोग करण्याऱ्यांक आव्हानांची वाट उकती करता. ही आव्हानांची वाट तांकतना तीं फकत आपलो मोग तडीक पावंचो अशी आशा बाळगितात. कांय तियात्रांतलीं पात्रां मोगाचे खोलायेक लागून जैतीवंत जावपाक पावल्यांत; तर कांय फावटीं मोग हो ढोंगीपणान भरिल्लो दिसता, हो मोग फकत कुडीची आस भागोवपा इतलोच मार्यादीत उरता. अशे तरेचो मोग हो मोग नासता पूण फकत तो एक मोगाचो खेळ  हे समाजीक स्थितीचेंय पडबिंब तियात्रांनी पडलां.

चित्रीत जाल्लो मोगी एक तर सकयले जातीचो वा गरीब कुटुंबांतलो म्हणून दाखयलां. अशे तरेच्या मोगाक फकत चलयेच्या कुटुंबां कडल्यान आडमेळीं उबीं जातात ताचें वास्तव चित्रण तांच्या कांय तियात्रांनी मेळटा.

सून-सासुमांय ह्या विशया परस समाजीक विशय अदीक प्रमाणांत आयल्यात.

कूळ कायदो आनी मुंडकार कायदो, ह्या दोनूय कायद्यांच्या संबंदान जो संघर्श कांय खेपे जाता ताचें चित्रण तियात्रांनी मेळटा. लेखकाच्या तियात्रांनी भाटकार वर्ग मुंडकारां कडेन चडसो निश्ठुरायेन वागता ताचें चित्रण आयिल्लें आसा. अशे परिस्थितींत मुंडकार वर्ग चडसो पिडणूक सोंसून घेता आनी  ताचे हक्क मेळोवपाचो आंवडो बाळगिता हें चित्र स्पश्ट दिसता. दोनूय कायदे अस्तित्वांत आयले उपरांत मुंडकार वर्ग आपलो हक्क मेळोवपाक धडपड करता आनी खूब प्रमाणांत जैतीवंत जाता हाचेंय चित्रण लेखकान पिंतारलां.

बस ट्रान्सपोर्ट नॅशनलायज करपा संबंदींचो गोंयचो प्रस्न लेखकान वास्तव रुपांत पडबिंबीत केला.

1980 वर्सा गोंयांत रांपणकार आनी ट्रॉलर ओनर असोशिएशन हांचे मजगतीं एक मोटो संघर्श जाल्लो ताची खबर *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत मेळटा. सरकार आपल्या फायद्याक लागून रांपणकारांचेर अन्याय करता अशें चित्र पळोवपाक मेळटा.

तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्ले बिगर गोंयकार कोंकणी उलोवपी आनी शाळेंत वचून कोंकणी शिकपी. कोंकणी ही गोंयची अस्मिताय. बिगर गोंयकार हे अस्मितायेचे भागिदार जाल्यात तें लेखक उजवाडाक हाडलां. तांचे कडेन रेशन कार्ड आनी व्होटींग कार्ड आसा. ह्या अशा तरांच्या बेकायदेशीर दस्तावेजांक लागून ते कायदेशीरपणान गोंयकारपणाचो पांवडो जोडूंक पावतात. ते कसलोय वावर करपाक, सादीं-सादीं कामां करपाक लजनात. गोंयकार ह्या बिगर गोंयकारांक सामान्यपणान उणाकपणान लेखतात. तांकां घांटी, वयले, भायले आदी नांवांनी हिणसायता अशें आसलें जाल्यारूय तांच्या वावराचेर गोंयचो पुराय समाज अवलंबून आसा हें विसरूंक जायना अशें लेखक सांगतात. लेखकान बिगर गोंयकारांची गरज वळखून घेतिल्ली आसा ह्याच कारणाक लागून ते बिगर गोंयकारांक 'नवे गोंयकार' म्हणून पाचारतात. लेखक तांकां नवे गोंयकार म्हणून घोशीत करता तरी पूण तांची बडटी पळोवन तांचे कडल्यान सावधान रावपाचो उलो मारता. लेखकान हें बिगर गोंयकारांचें चित्र पिंतारलां तें गोंयचें वास्तवीक समाज जीवन अशें थावें जाता.

गोंयकार परदेशांत वतात तांचें जीवन तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी दाखयलां. तांकां 'गोंय, गोंयकार आनी गोंयकारपण' हें खूब लागींचें आसा. ते आपली

संस्कृती विसरनात. तांकां आपल्या गोंयकारपणा विशीं अभिमान आसा तें चित्रीत जालां.

दादल्या स्वरुपाचीं पात्रां अस्तुरे पात्रां परस अदीक शिक्षीत आसात. दादल्या स्वरुपाचीं पात्रां खूबश्या प्रमाणांत राजकारणांत मिसळ जाल्लीं आसात जाल्यार अस्तुरे पात्रां खूब कमी प्रमाणांत राजकारणांत दिसतात. समाज सेवे विशीं तसलीच परिस्थिती आसा म्हणपाचें चित्रण कांय तियात्रांनी आयलां.

वावर-धंद्यांत वांटेकार जाल्लीं पात्रां चडश्या प्रमाणांत दादल्यांचीं आसात जाल्यार अस्तुरी पात्रां खूब उणे संख्येन दिसतात.

दादलो कांय फावटीं आरीन धरिल्लो आसा जाल्यार कांय फावटीं कुड्डो कसो पिंतारला. हें अशे तरेचें अपंगूळपण अस्तुरी पात्रांक लागू जाल्लें दिसना.

मोगी-मोगिकेचे बाबतींत मोगी चडसो गरीब कुटुंबांतलो वा सकयले जातींतलो कसो चित्रीत जाला जाल्यार मोगिका चडशी गिरेस्त कुटुंबांतली वा उंचेले जातीची कशी चित्रीत जाल्या. मोगी चडसो अस्तुरेचो नीज मोग करपी पूण कांय फावटीं हो मोगी अस्तुरेचे कुडीचो फायदो घेवन तिका फटयता. असली घडणुकूय एका तियात्रांत आयल्या.

तियात्रांनी पिंतारिल्लो दादलो कांय फावटीं निसुवार्थी मनान समाज सेवा करता जाल्यार कांय फावटीं आपसुवार्थान भरून वावुरतना दिसता. अस्तुरी निसुवार्थी मनान समाज सेवा करता खरी पूण ती आपलें कुटुंबा विशीचें कर्तव्य पाळूंक उणी पडटा हें समाजीक वास्तव चित्रणांत आयलां.

कांय तियात्रांनी पडबिंबीत जाल्लो दादलो चडश्या प्रमाणांत प्रामाणीकपणान चलता जाल्यार कांय फावटीं भ्रश्टाचारांत सांपडून फटींपणाचें जीवन जगता, जाल्यार अस्तुरे पात्रांचें प्रामाणीकपण खूब उण्या प्रमाणांत दिसता आनी त्यो लेगीत कांय फावटीं भ्रश्टाचारांत सांपडून फटींगपणाचें जीवन जगतात हे वस्तुस्थितीचेंय चित्रण पडबिंबीत जालां.

## प्रकरण 5

# तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन : राजकारण

### 5.1 प्रस्तावना

‘तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन’ अभ्यासतना ह्या प्रकरणांत खास करून राजकी बाजू लक्षांत घेतल्या. हो विशय फुडें व्हरतना पयले सुवातेर राजकी संदर्भांतल्यान तियात्राचे फाटभुंयेचेर लक्ष केंद्रीत केलां. उपरांत लेखकान वेंचणुकेंत भ्रश्ट चाली दाखोवन दिल्यात तांचें विश्लेशण केलां. ताचे उपरांत राजकी फुडाऱ्यांचीं रुपां कशीं आसात तें अभ्यासलां आनी शेवटाक राजकारणांत जे परिणामकारी घटक लेखकान आसपावून घेतल्यात तांचेर उजवाड घाला.

### 5.2 राजकी संदर्भांत तियात्राची फाटभूंय

17 एप्रील 1892 ह्या दिसा पयलो तियात्र मुंबय जल्माक आयलो. त्या वेळार गोंयांत पुर्तुगेज राज चलतालें जाल्यार मुंबय ब्रिटीश राज्य चलतालें. अशे इतिहासीक फाटभुंयेर जल्मल्लो कोंकणी तियात्र, गोंयचे सुटके पयलीं मुंबय गाजलो. गोंय मुक्ती उपरांत तियात्राक नवी दिका मेळ्ळी. पुर्तुगेज मुस्तींतली तियात्रा वयली सॅन्सरशीप काडून उडयिल्ल्यान नवे विशय, आशय तियात्रांत येवंक लागले. राजकी उपहास, लोकशायेचीं फकांडां, राजकी फुडाऱ्यांचेर टिकाय तियात्राचे माचयेर जावंक लागली. आदीं गोंयांत अशें करप जमचें नासलें कारण खंयचीय दाखवण करतलो जाल्यार ते दाखवणेची संहिता तपासताले. ते दाखवणेंत पुर्तुगेज सरकारा आड कितेंय सांपडलें जाल्यार

संहितेक मान्यताय मेळनासली. अशे फाटभुंयेर राजकी स्वरुपाचे तियात्र गोंयांत सादर जावपाक कठीण आसले.

गोंयचे सुटके उपरांतच्या काळांत कन्सॅप्शन-नॅलसन-एन्थनी हांचो *'पोलीटिकल ब्लास्टर'* ह्या नांवाचो फामाद त्रियो राजकी भ्रश्टाचार कांतारांतल्यान उकतडा हापडाचें धाडस करपाक पावलो. नेलसन आफोंस हांचो *'नॅशनलिस्ट'* हो राजकी स्वरुपाचो तियात्र म्हणून  उल्लेख मेळटा. रॉम टोनी हांचो *'गोंयचें इलेसांव'* हो राजकी स्वरुपाचो तियात्र म्हण नोंद आसा. विलियम दे कुरतोरीं हो तियात्रिस्त राजकी विशयाचेर कांतारां गावपाक फामाद आशिल्लो (Tiatr 125th Anniversary).

2020 वर्साच्या अदमासाक तियात्रिस्तां मदें फ्रांसीस दे तुयें, सेबी दे दिवार आनी ओल्गा ही राजकी विशयाचीं कांतारां गावपांत नामनेक पाविल्लीं. राजकी विशयाचेर तियात्र बरोवपाक प्रिन्स जेकब आनी रोजफन्स हांणी आपली हुशारकाय दाखयल्या. तशेंच तोमाझिन्यु कार्दोजान आपले कितलेशेच राजकी स्वरुपाचे तियात्र बरयल्यात.

तोमाझिन्यु कार्दोजान *'खाशा भयण'* हो पयलो तियात्र 1964 वर्सा बरयलो. तांच्या काळार सॅन्सरशिपीचें बंधन नाशिल्लें. तांचे तियात्र गोंयचे सुटके उपरांतच्या काळाचें (गोंयचें) दर्शन घडयतात. तांणी 2021 वर्सा मेरेन 40 तियात्र बरयल्यात. तातूंतले 21 तियात्र पुस्तक रुपान उजवाडाक हाडल्यात. उजवाडाक हाडिल्ल्या 21 तियात्रां मदले दोन तियात्र: *'समाज सेवा'* (1990), आनी *'नोवी दिशा'* (2012) पुरायपणीं राजकी स्वरुपाचे आसात. जाल्यार *'कांटेच कांटे'* (1980), *'आमी सगळे एक'* (1993), आनी *'सांखळ्यो'* (1998) ह्या तियात्रांनी चडश्या प्रमाणांत राजकी विशय आसपावला. फुडें *'काळोख आनी उजवाड'* (1977) आनी *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांनी भोव थोड्या प्रमाणांत राजकी संदर्भ आयला, जाल्यार *'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'* आनी *'उतरां*

*आनी करण्यो'* ह्या तियात्रांनी राजकारणाचो फकत उल्लेख आयला. तांच्या तियात्रांनी चड करून राजकारणाचो विशय आयिल्लो आसा.

## 5.3 वेंचणुकेंत भ्रश्ट चाली

वेंचणूक ही एक प्रक्रिया आनी हे प्रक्रिये वरवीं लोक प्रतिनिधी वेंचून काडटात. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी साबार फावटीं वेंचणुकेचो विशय आयला. ह्या विशयाची विस्कावणी अशी आसा:

### 5.3.1 उमेदवारी फाटीं घेवपाक हांयस

*'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत पक्षाध्यक्ष विनोदाक तिकेट दिना जावन विनोद अपक्ष उमेदवार कसो वेंचणुकेक उबो रावपाचो निर्णय घेता. असले परिस्थितींत पक्षाध्यक्ष विनोदाक सांगता:

आयज तूं एके शाळेंत टिचर म्हणन काम करता. तूं तर येता ते वेंचणुकेंत ह्या मतदारसंघांत उमेदवार म्हणून उबो रावना जाशी जाल्यार, हांव तुका खात्रेन सांगता की एलिसांव जातोच बऱ्याशा इस्कोलाचो तुका हेडमास्टर करतां. आनी हेडमास्टरशीप तुका नाका जाल्यार एडुकेशन डिपार्टमेंटांत एका ऑफिसराची हांव तुका सिर्वीस दितां... (2/39-40).

विनोद हें आपल्याक मान्य ना अशें पक्ष अध्यक्षाक सांगता. विनोद हांयसाक बळी पडना. *'समाज सेवा'* तियात्रांत उमेदवार फॅलिक्साचीय वागणूक विनोदा भाशेन हांयसाक बळी पडना तसली आसा ती लेखकान चित्रीत केल्या.

वेंचणुके वेळार खूब जाण उमेदवारी अर्ज भरतात. पक्षाचे उमेदवार आनी अपक्ष उमेदवार अशे दोन वांटे करूं येतात. अपक्ष उमेदवार आसप म्हणल्यार पक्षाच्या

उमेदवारांचेर आकांत येता. ह्या अपक्ष उमेदवारांक लागून पक्षाच्या उमेदवारांचें मत-गणीत हालता. कांय फावटीं अशेंय जावं येता की अपक्ष उमेदवारच्यान पक्षाच्या उमेदवाराक असोच हारोवं येता. हाका लागून पक्षाचो अध्यक्ष मत-गणीत जुळोवन हाडूंक अपक्ष उमेदवाराक उमेदवारी फाटीं घेवपा खातीर हांयस दाखयता हे विशींचें चित्रण ह्या तियात्रांत आयलां.

कांय फावटीं अपक्ष उमेदवार वेंचणूक जिखपा खातीर न्हय तर पक्षाच्या उमेदवारांचीं मतां फोडपा खातीर वा पयशे कमोवपा खातीर उमेदवारी अर्ज भरता. लेखकान आपल्या तियात्रांत असल्या अपक्ष उमेदवारांची रुपां दाखयल्यांत.

अपक्ष उमेदवार अशेय आसतात जांकां कितलेय पयशे वा कसलेंय हांयस दाखय, ते कशेच बागोवचे नात. असलेच, हांयसाक बळी पडनाशिल्ले उमेदवार, विनोद आनी फॅलिक्स ह्या पात्रां वरवीं आयल्यात.

वेंचणुके वेळार उमेदवारी फाटीं घेवपाक हांयस दाखोवपी समाजांत दिश्टी पडटात तांची लेखकान दखल घेतल्या. असल्या राजकारण्यांक लेखक वेंचणुकेचे भ्रश्ट चालींत आसपावून घेता. लेखकान चित्रीत केल्ले उमेदवार मात ही भ्रश्ट चाल न्हयकारतात. *‘लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम 1951’* ह्या कायद्यांत आशिल्ल्या *‘उमेदवारी फाटीं घेवपाक हांयस’* हे भ्रश्ट चालीक हे अश्या तरांचे उमेदवार बळी पडनात तें ह्या तियात्रांनी उजवाडाक आयलां.

विनोदा भाशेन लेखकूय 1995 वर्सा वेंचणुकेक उबो राविल्लो. तेन्ना तेवूय समाज सेवक आनी शिक्षक आशिल्ले. लेखकान तियात्रांत चित्रीत केल्या ती परिस्थिती लेखकाचे जिणे कडेन संबंदीत आसा अशें दिसता पूण हो तियात्र सादर जाला तें वर्स (1980)

आनी लेखक वेंचणुकेक उबो राविल्लो तें वर्स ध्यानांत घेतलें जाल्यार हें खूब उपरांतचें प्रकरण म्हणपाचें थावें जाता.

### 5.3.2 मतदारांक भुलोवप

उमेदवार आपल्याक मतां दिवचे खातीर मतदारांक एका एका मता फाटल्यान पयशे दितात. कोण एक उमेदवार सरकारी नोकऱ्यो फावो करता. जाल्यार दुसरो कोण उमेदवार बायलांक फुसलावपाक साडयो दिता. घरा-घरांनी टिव्ही. दिता, तरणाट्यांक चिकन आनी सोरो दिवन भुलयता अशें *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांतलें रिचर्ड हें पात्र सांगता (3/170).

*'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांतलें सांतू हें पात्र आपल्याक एका-एका मता फाटल्यान एक एक पेग (सोरो) जाय म्हणपाचें रापोजो उमेदवाराक सांगता (4/140). तशेंच *'समाज सेवा'* तियात्रांत पांडू हें पात्र कोतरीनाक सांगता, "आगो रापोजाचे मुनीस खंय लोकाक दुडू वांट्टात, साडयो वांट्टात, भुरग्यांक बॉल दितात आपल्याक मतां मेळोवपाक" (1/110). *'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांतूय एका मता फाटल्यान 500 रुपया दितात ताची खबर आयल्या. *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत बोस्त्यांव हें पात्र म्हणटा, "गेल्या एलेसांवांक आमकां खारव्यांक म्हाराष्ट्रवादी गोमंतक, जनता, आनी कोंग्रस, ह्या तिनूय पक्षांनी कळशांनी सोरो वांटलो. आमी ओगी रावल्यात? ना! आमी बोरेच पियेले, बोरीच मोवजा मारली, पूण मोत मारच्या वेळार मात आमकां जाय ताकाच मारलें (2/33). ह्याच संदर्भांत *'नोवी दिशा'* तियात्रांतलें डॉली हें विनोदी पात्र उमेदवार कोरदेराच्या मनशां कडल्यान वीस हजार रुपया घेता आनी आपल्या शेजाऱ्यांक दिवन मार्गारिदाक मतां मारपाक सांगता (3/181). तशेंच *'समाज सेवा'* तियात्रांत कोतरीन

उमेदवार रापोजाच्या मनशा कडल्यान धा हजार रुपया घेता आनी उमेदवार फॅलिक्साची मिटींग फुलोवंया म्हणून सांगता (1/111).

उमेदवार वेंचणुकेक उबो रावता तेन्ना आपूण जिखचो अशी अपेक्षा आसताच. वेंचणूक जिखपाक उमेदवार वेगवेगळे आडगां-नाडगांचे उपाय करपाक पासून फाटीं रावनात. मतदारांक भुलोवपा खातीर तांच्या हातार वा ताळयार कितें ना कितें दवरतात. हें हातार वा ताळयार दवरपा फाटलो एकूच उद्देश आसता तो म्हणल्यार तांचीं मतां आपल्याक फावो जावंचीं. अशेच तरेचें चित्रण साबार तियात्रांनी आयलां. हे अशे तरेचे वागणुकेक लागून वेंचणुकेचेर वायट प्रभाव पडटा आनी वेंचणुकेचो निकाल योग्य जावंक पावना तें ह्या तियात्रांतल्यान थावें जाता. वेंचणुके संबंदीं ही अशे तरेची चाल एक भ्रश्ट चाल म्हणपाचें '*लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951*' ह्या कायद्यांत आसा.

मतदानाचो हक्क वापरतना आपल्याक जाय त्या उमेदवाराक मतदान करपाक मतदाराक अधिकार आसता. लेखकान चित्रीत केल्ले कांय मतदार भुलोवण्यांक लागून आपलें मत आपल्याक जाय ताका न्हय पूण आपल्याक दुडू दितल्याक दितात. आपलें मत दुडू दितल्याक विकप म्हणल्यार आपल्याक आशिल्लो माताधिकार विकप. अशे तरेचें जीवन जगतल्यांक तियात्रांच्या माध्यमांतल्यान हारसो दाखोवपाचो प्रयत्न जाल्लो आसा. दुडू दितल्याक आपलें मत विकून लोकशायेचो खून करचो न्हय अशे तरेची शिकवण ह्या तियात्रांतल्यान मेळटा.

उमेदवार आनी मतदार दुडू स्विकारता हे प्रक्रियें वरवीं मतांचो वेपार जाता. दुडू दिवपी आनी ते घेवपी, हांचें चित्रण लेखकान आपल्या तियात्रांनी केलां. दुडू दिवपी ते दिले उपरांत ते घेता ताचें मत आपल्याक मेळटलें अशी अपेक्षा करता. कांय फावटीं ही अपेक्षा पूर्ण जाल्या आनी कांय फावटीं  अपेक्षाभंग जाता. मतांचो वेपार जातना कांय

फावटीं दोनूय वटांनी प्रतिसाद मेळटा जाल्यार कांय फावटीं हो प्रतिसाद एके बाजूचो जावंक पावता. देखीक *'समाज सेवा'* तियात्रांत कोतरीन उमेदवार रापोजाच्या मनशा कडल्यान धा हजार रुपया घेता आनी उमेदवार फॅलिक्साची मिटींग फुलोवंया म्हणून सांगता. हांगा मतदार उमेदवारा कडल्यान दुडू स्विकारतात पूण मत दितना दुसऱ्याकूच दितात. दुडू दिले उपरांत ते दिवप्याक मत वा मतां मेळटलींच अशें सांगपाक जायना हें लेखक दाखोवन दिता. गोंयच्या समाजांत आशिल्ले दुडू दिवपी आनी ते घेवपी हांची वागणूक लेखकान पडबिंबीत केल्या.

मतदान करप हें एक पवित्र कार्य. लेखकान मतदार मतदानाचो हक्क वापरतात तें चित्रीत केलां पूण हेच मतदार भुलोवण्यांक लागून आपलें पवित्र कार्य भ्रश्ट करतात तें उजवाडाक हाडलां.

### 5.3.3 धर्माच्या नांवान प्रचार

*'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत उमेदवार रापोजो मतां मेळचे खातीर धर्माचें नांव वापरून आपल्याक मत मारपाक रोजीनाक म्हणटा, "पोय रोजीन, तूं क्रिस्तांव आनी हांवूय क्रिस्तांव. क्रिस्तांवांचीं मोतां क्रिस्तांवांकूच दिवंक जाय. म्हणटोच तुजें मोत म्हाका दिवंक जाय" (4/144). तशेंच ह्याच तियात्रांत उमेदवार चिमुलकार आपल्याक मतां मेळचे खातीर आपल्या धर्माचें नांव वापरून आपल्याक मत मारपाक बाप्पाक म्हणटा, "… आमचीं मतां आमकांच पडूंक जाय. म्हणचे हिंदूचीं मतां हिंदूंकूच पडूंक जाय" (4/144).

रोजीन आनी बाप्पा हीं वेगळ्या धर्मांचीं आसलीं तरी तांचे मदें अखंड एकचार आसता. उमेदवारांच्या आपसुवार्थाक लागून तांच्या एकचाराक वेर येता. आपल्याक मतां मेळोवन घेवपाक धर्माचें नांव वापरून आपलें काम सादयतात तसले संवाद

उमेदवारांच्या तोंडांत लेखकान घाल्यात. हे संवाद त्या वाठारांतलें शांतीचें वातावरण दुस्मानकायेंत बदलतात. असले हे वायट वागणुकेचेर बडी मारपाचो प्रयत्न हो तियात्र करता.

ह्याच तियात्राचे अखेरेक तेच दोन उमेदवार दुसरे वेंचणुकेच्या दिसांनी आपल्या मतदारसंघांतल्या घरा-घरांनी भोंवतात तेन्ना मतदार शिटूक जावन तांची चूक तोंडार मारतात "... ह्या एलेसांवांक आमचीं मतां कोणाक ? ... जो मुनीस हिंदू आनी क्रिस्तांवां मदें दुस्मानकाय रोचिना पोय ताका" (4/168).

धर्माच्या नांवान उमेदवारान आपल्याक मतां मेळोवन घेवप म्हणल्यार वेंचणुकेंत जावपी भ्रश्ट चालींतली एक चाल अशें '*लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम 1951*' ह्या कायद्यांत आसा. हे भ्रश्ट चालीक लागून वेंचणुकेचो निकाल सारको जावंक पावना. हो तियात्र हे असले भ्रश्ट चालीचो विरोध करता. वेंचणूक नितळ आनी योग्य पद्दतीन जावंची अशी शिकवण ह्या तियात्राच्या माध्यमांतल्यान मेळटा.

### 5.3.4 भाशेच्या नांवान प्रचार

तोमाझिन्यु कार्दोजान *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत दोन राजकी फुडारी भाशेच्या नांवान आपल्याक मतां मेळोवन घेवपाचो प्रयत्न करतात तें चित्रीत केलां. राजकारणी रापोजो रोजीनाक सांगता, "आगो रोजीन, ते कोंकणे खंय गोंयची भास मराठी करूंक सोदता" (4/145). फुडें मागीर बाप्पा असो तिडकता, "आब्बा? आमची धर्माची भास मराठी आसताना ती कोंकणी कित्याक?" (4/146).

भाशेक लागून एक मनीस दुसऱ्या मनशा कडेन सहजपणीं आपली भावना व्यक्त करूंक पावता. आपले भाशे कडेन दर एका मनशाचें लागशिल्लें नातें आसता. आपले भाशेचो जण एकल्याक अभिमान आसता. हाकाच लागून भाशेचे भक्त आपली भास राखप

आनी सांबाळप हें आपलें कर्तव्य मानतात. कांय फावटीं अशे तरेचे मनीस समाजांत मेळटात जे भाशेच्या नांवान वाद निर्माण करतात. चिमुलकार आनी रापोजो हे भाशेचो वाद पेटोवपी राजकारणी कशे ह्या तियात्रांत चित्रीत जालां. ह्या अश्या तरांच्या उमेदवारां कडल्यान सावध रावपाक हो तियात्र शिटकायता.

"…जो मनीस भाशेचो आधार घेवन समाजांत उजो पेटयना... दुस्पोट घालिना... आमचो समाज भाशावादाच्या दुरगांनी वांटूंक फावना... ह्याच उमेदवाराक आमचीं मतां दितलीं" (4/168-169). ह्या संवादा वरवीं हो तियात्र भाशेच्या नांवान फूट घालतल्यां आड आवाज उठयता.

भाशेच्या नांवान वेंचणुकेंत प्रचार करप म्हणल्यार त्या त्या भाशीक वर्गाक आपल्याक मतां दिवपा खातीर भुलोवप. उमेदवार अशे तरेची चाल आपणायता तेन्ना भाशेचे भक्त आपल्याक नाकात जाल्यार पासून आपलीं मतां ह्याच उमेदवाराक दितात. कारण मतदारांक उमेदवारा परस आपली भाशा म्हत्वाची दिसता. खरें म्हणल्यार, हे भाशेचे भक्त उमेदवाराक मत दिनात पूण आपले भाशेक हें मतदान करतात. हाका लागून वेंचणूक नितळ आनी योग्य पद्दतीन जावपाक पावना. अशे तरेची वेंचणूक भ्रश्ट चालींत आसपावता अशें '*लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951*' ह्या कायद्यांत आसा. हो तियात्र हे असले भ्रश्ट चालीचो प्रतिकार करता आनी वेंचणूक नितळ आनी योग्य पद्दतीन करपाची शिकवण दिता.

### 5.3.5 गुंडगिरीचो वापर

'*समाज सेवा*' ह्या तियात्रांत गाब्रू हें पात्र गुंडांचें प्रतिनिधित्व करता. गाब्रू मंत्री रापोजाचो कार्यकर्तो. 'तूं आपल्या सहकाराक लागून जैतीवंत जावपाक पावला' अशें वेंचणूक जिखले उपरांत गाब्रू रापोजोक सांगता. रापोजाच्या मतदारसंघांत 22 हजार मतदार

आनी दोन उमेदवार आसतात. रापोजाक पडटात 5,633 आनी ताचे आड आशिल्ल्याक 1,215 सगळीं मेळून 6,848 मतां जातात. उरिल्ले 15,152 मतदार मतां घालूंक येवंक नात ताचें स्पश्टीकरण दितना गाब्रू रापोजाक सांगता, "तुमी मतां घालूंक येशात जाल्यार फकत रापोजो बाबाकूच मोत घालूंक जाय. रापोजो बाबाक मोत घालपाचें ना जाल्यार घरांतलीं भायरूच सोरोंनाकात. एक एकल्याचे दोंके मोडटोलों. हेच भिरांतीक लागून पंदरा हजारां वयर लोकांनी मोतां घालूंक ना" (1/66-67). *'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांत अशेच तरेन, बारा हजार मतदार आपले धमकेक लागून मतां घालूंक येवंक नात म्हूण रॉकी (गुंड) मंत्री कोरदेरोक सांगता (2/199). *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांतलो कोरदेरोचो पी. ए. पासून हे संबंदीं म्हणटा, "… मतदारसंघांतले सगळे दादा आनी गुंडा तुजे बरोबर आसात. आरे सर, तांकांच वापरून आमी फाटलीं तीन एलेसांवां जिखले मुरे" (3/173).

गोंयांत वेंचणुके संबंदीं गुंडगिरीचो वापर जाता ही सत्य गजाल पूण ही गुंडगिरी तियात्रांत दाखयल्या तितल्या प्रमाणांत गोंयांत जाता म्हणप भोव कठीण. वयर नोंद केलां ते प्रमाण ती आंकडेवारी 22 हजारांतलीं 15 हजार मतां गुंड गाब्रू आडावन धरता. तशेंच रॉकी (गुंड) 21 हजारांतलीं 12 हजार मतां आडायता. 22 हजारांतलीं 15 हजार मतां हिसबांत घेतलीं जाल्यार 68% मतां गाब्रूच्या नांवार पडटात. गोंयच्या राजकी इतिहासांत खंयच्याच मतदासंघांत 50% परस सकयल मतदान जाल्ली खबर मेळना. गोंयांत असली परिस्थिती केन्नाच निर्माण जावंक ना, जाल्यार ही परिस्थिती गोंयांच्या समाजांत लेखकान दाखयल्या ती अतिताय अतिताय अशें म्हणचें पडटा. हें अशे तरेन हेर कांय राज्यांनी जावं येता वा हिंदी सिनेमांनी दाखयतात तसली अतिताय गजाल म्हणूं येता. गोंयचे वेंचणुकेची सत्य परिस्थिती दाखोवपाक हो तियात्र कमी पडटा.

गुंडगिरीचो वापर करून जिखूं येता हें मान्य करूं येता; पूण गुंडगिरीच वापरून जिखूं येता हें मानून घेवप भोव कठीण. फाटल्यो तीन वेंचणुको जिखले उपरांत फुडले वेंचणुकेंत भ्रश्टाचारी कोरदेरोक मार्गारिदा सहजपणीं हारयता. हें गुंडगिरीची मर्यादा दाखोवन दिता. गुंड वा गुंडगिरी राजकारणाचो भाग जावन पडला अशें ह्या तियात्रांत थावें जाता.

उमेदवार गुंडाचो वापर करून आपलें काम सादयतात तें लेखकान उजवाडाक हाडलां. असल्या गुंडांक लागून वेंचणुकेचेर वायट परिणाम जाता. भ्रश्टाचारी उमेदवार फकत गुंडगिरीक लागून जिखता आनी भ्रश्टाचारी नाशिल्ल्या उमेदवाराच्या वांट्याक फकत त्याच कारणाक लागून हार येता. वेंचणुकेच्या दिसांनी गुंड हो कितलो परिणामकारी आसता तें लेखकान दाखयलां. वेंचणुके संबंदीं ही असली परिस्थिती भ्रश्ट चालींत आसपावता अशें '*लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951*' ह्या कायद्यांत आसा.

### 5.3.6 पुलिसांचो गैरउपेग

*'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांत वेंचणुके संबंदीं पुलीस हवालदार सांगता, "सायब, पुलीस स्टेशनाचेर जायतीं कंप्लेन्स आयलीं. हांवें कितें केलें जाणा? हांवें दोळे धांपले. कंप्लेन्स रिकोर्ड केलीच नांत" (2/199). ह्याच संदर्भांत *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांतलो कोरदेरो जो तीन फावटीं निवडून येवन पंदरा वर्सां साकून मंत्रीपदार आसलो तो पुलीस खातें आपल्या हिता खातीर वापरता (3/173).

वेंचणुकेच्या दिसांनी वेंचणुके संबंदान पुलिसांचें जें कर्तव्य आसता ताका तांणी पुरायेन पाळो दिवपाचो आसता. पुलीस जितले म्हेनतीन आनी फिकिरीन वावुरतात तितलीच वेंचणूक योग्य तरेन जाता. ह्याच कारणाक लागून वेंचणुकेच्या दिसांनी पुलीस हो प्रभावी घटक थारता. खंयच्याय उमेदवारान कायद्या आड कितेंय केलें जाल्यार कागाळ नोंद

जाता. लेखकान चित्रीत केल्ले पुलीस उमेदवारांचे भ्रश्ट चालीक लागून बेजबाबदारेन वागतात. हे तांचे वागणुकेक लागून वेंचणुकेचेर वायट प्रभाव पडटा. उमेदवाराचें हें बरेपण जायत पूण वेंचणुकेचे प्रक्रियेंत ही एक भ्रश्ट चाल अशें लेखकान आपल्या तियात्रांतल्यान पडबिंबीत केलां. अशे तरेचो वायट प्रभाव भ्रश्ट चालींत आसपावता अशें '*लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951*' ह्या कायद्यांत आसा. ह्या तियात्रा वरवीं पुलिसांची भ्रश्ट चाल समाजाचे नदरे मुखार आयिल्ली आसा.

लोकशायेचें मुळावण वेंचणुकेचेर आदारिल्लें आसा. वेंचणूक ही एक म्हत्वपूर्ण प्रक्रिया. हे प्रक्रिये वरवीं लोक प्रतिनिधी वेंचून काडटात. वेंचणुके संबंदींचे नेम आनी प्रक्रिया '*लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951*' ह्या कायद्यांत आसात. वेंचणूक योग्य पद्दतीन जावपा खातीर हो कायदो केल्लो आसा. ह्या कायद्यांत वेंचणुके संबंदीं भ्रश्ट चाली खंयच्यो तें सांगिल्लें आसा. तोमाझिन्यु कार्दोजान साबार तियात्रांनी ह्या भ्रश्ट चालींचो विशय हाताळ्ळा. हो विशय हाताळटना ते समाजाक हारसो दाखोवन परिस्थितीची जाणविकाय करून दितात.

बरे तरेन जाल्ले वेंचणुके वरवीं बरे लोक प्रतिनिधी वेंचून येवपाक पावतात. हे वरवीं राजकारभार बरो चलूंक पावता. वेंचणुकेंत भ्रश्ट चालींचो वापर जालो जाल्यार भ्रश्ट लोक प्रतिनिधी वेंचून येतले आनी लोकशाय भ्रश्ट जातली अशें तोमाझिन्यु कार्दोजान साबार तियात्रांनी दाखयलां.

### 5.4 राजकी फुडाऱ्यांचीं रुपां

तोमाझिन्यु कार्दोजाले साबार तियात्र राजकी स्वरुपाचे आसात. ह्या तियात्रांनी अनेक तरांचे राजकी फुडारी चित्रीत जाल्यात. तांची वागणूक कशी, तांची विचारसरणी

कसली, हें सगळें मनांत दवरून तांचीं वेगवेगळीं रुपां दोळ्यां मुखार उबीं जातात. हींच रुपां हांगा विस्कावन दाखयल्यांत.

### 5.4.1 समाजाचें बरेपण केंद्रस्थानार दवरपी

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांतले कांय लोकप्रतिनिधी समाजाचें बरेपण केंद्रस्थानार दवरतात. देखीक: *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत विनोदाचें पात्र चित्रीत जालां. विनोद एक शिक्षक आनी समाज सेवक. तो आपल्या वाठारांत निसुवार्थी मनान समाज सेवा करता. ताचे हे असले समाज सेवेक लागून त्या वाठारांतलो लोक ताका वेंचणुकेक उबो करतात आनी तो जैतिवंतूय जाता. वेंचणुके वेळार दिल्लीं आश्वासनां हेर मंत्री आपल्या फायद्याक लागून कडेक दवरतात तेन्ना तो आपलो आवाज उठयता. तो आपलें बरेपण न्हय पूण समाजाचें बरेपण उंच उबारून धरता.

*'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांत ब्रागांजा हें सुटके झुजाऱ्याचें पात्र आयलां. गोंय मुक्त जालें तरी आजून अनितीच्या चेपणा खाला आसा तें पळोवन तो निराश जाता. समाजांत आशिल्ली ही अनीत सोंपोवंक तो वेंचणूक लडोवपाक फुडें सरता. समाजाचो शुभचिंतक जावन तो समाजाचें बरेपण उंचेल्या पांवड्यार दवरता.

समाजाचें बरेपण तें आपलें बरेपण अशें मानपी राजकी फुडारी निसुवार्थी मनान समाज सेवा करतात. असले राजकी फुडारी समाजाचें बरेपण केंद्रस्थानार दवरतात. लेखक विनोद आनी ब्रागांजा हांचीं पात्रां चित्रीत करतना समाजाचें बरेपण केंद्रस्थानार दवरपी हें रूप तांकां दिता. समाजाक असलेच राजकी फुडारी जाय अशी शिकवण त्या तियात्रांनी मेळटा.

### 5.4.2 सेवेचो भोवमान करपी

कांय तियात्रांनी लोकप्रतिनिधी समाज सेवकांचे सेवेची तुस्त-तोखणाय करून तांकां पुरस्कार दितात. देखीक: *'भुरगीं आमचीं गिरेस्काय'* ह्या तियात्रांत समाज सेविका बार्बोजा समाजाची सेवा करता. मुखेल मंत्र्याक तिची सेवा मान्य जावन तो तिका राज्य पुरस्कार आनी ते उपरांत राष्ट्रीय पुरस्कार फावो करता. हेच तरेन *'उतरां आनी करण्यो'* ह्या तियात्रांत नितीन ह्या समाज सेवकाचे सेवेची तुस्त-तोखणाय केल्ली नदरेंत भरता.

तुस्त-तोखणाय करप ही एक सकारात्मक शक्ती जी मनशा भितर रिगली जाल्यार परिणामकारी जाता. कोणेंय कसलेंय बरें कार्य केले उपरांत ताची तुस्त-तोखणाय जाली जाल्यार ताच्या वावराक अदीक फाटबळ मेळटा. तुस्त-तोखणाय करून, ताची सेवा वळखून घेवन ताका पुरस्कार दिवप म्हणल्यार एक मानाची गजाल. ही तुस्त-तोखणाय करपी एक मानाचो मनीस वा राजकारणी आसत जाल्यार मुदयेर थीक घाल्ले वरी जाता. अशेच तरेन तुस्त-तोखणाय करून सेवेचो भोवमान करपी लोकप्रतिनिधी ह्या तियात्रांनी उजवाडाक आयल्यात. ह्या लोकप्रतिनिधीं असलीं पात्रां समाजांत आसप म्हणल्यार समाजाची प्रगती जावप अशे तरेचो विचार ह्या तियात्रांच्या माध्यमांतल्यान व्यक्त जाला.

### 5.4.3 शिक्षीत

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या कांय तियात्रांनी शिक्षीत राजकारण्यांचीं पात्रां आयल्यांत. देखीक: *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत शिक्षक विनोद शिक्षण मंत्री जाता. *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांत दोतोर आनी नितीदार हीं पात्रां वेंचणूक लडयतात. *'समाज सेवा'* तियात्रांत उमेदवार आदवोगाद फोर्तेसाचें पात्र आयलां.

शिक्षण मनशाक ज्ञानी आनी सुसंस्कृत जावपाक योग्य निर्णय घेवपाक खूब आदावाचें जाता. खास करून राजकी फुडारी शिकिल्ले आसतात तेन्ना तांचें शिक्षण तांकां खूब फायद्याचें जावपाक पावता. गोंयच्या राजकारणांत शिक्षक, दोतोर, आदवोगाद आदी आमदार-मंत्री जावन गेल्यात आनी अजून आसात. तांचें वास्तवीक चित्रण कांय तियात्रांत आयिल्लें आसा.

### 5.4.4 नोकऱ्यो विकपी

राजकी फुडारी नोकरी विकतात ताचें चित्रण कांय तियात्रांनी केल्लें आसा. देखीक: *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत शॉन पिएक विचारता, सरकारी नोकरी विकचे खातीर कितले दुडू घेतात? तेन्ना पिए जाप दिता, "बाबा, ताका मेनू कार्ड आसलें. तें मेनू कार्ड घेवनूच हांव आयलां. प्युनाच्या जॉबाक 3 लाख, क्लार्काचे सिर्विसेक 5 लाख, डिरेक्टराच्या जॉबाक 50 लाख... पुलीस डिपार्टमेंटान रेट मातशी कडक आसली. हवालदाराची सिर्वीस दिवपाक 6 लाख, सब इंस्पेक्टर 3 लाख, इन्स्पॅक्टर 60 लाख..." (3/194-195). असलीच घडणूक *'सांखळ्यो'* तियात्रांत मेळटा. जॉनी आनी मारिया नोकरी विकचे खातीर कितले दुडू घेतात तें ब्रागांजाक सांगून दितात (2/169).

नोकरी मेळोवन घेवच्या हावेसान मनीस शिक्षण घेता. शिक्षण प्राप्त केले उपरांत नोकरी मेळोवन घेवपाचे वाटेक लागता. नोकरेचेर आपलो फुडार निंबून आसा आनी हाकाच लागून नोकरी हो मुळावो प्रस्न ताचे मुखार उबो रावता. नोकरी सहजपणीं मेळना. एकेच नोकरे खातीर हजारांनी उमेदवार अर्ज करतात. अशा वेळार नोकरी मेळोवन घेवप म्हणल्यार भोव कठीण काम. कांय फावटीं मनीस नोकरी मेळोवन घेवपा खातीर भ्रश्टाचाराचो उपाय काडटा. हो उपाय म्हणल्यार आपलें काम सादोवन घेवपा खातीर संबंदीत मंत्र्याक पयशे दिवप आनी नोकरी विकती घेवप. हे परिस्थितींत मंत्री हो

म्हत्वाचो घटक, जो असले परिस्थितींचो फायदो घेता. कांय राजकी फुडारी असले परिस्थितीचो फायदो घेतात ताचें चित्रण ह्या तियात्रांनी आयिल्लें आसा.

### 5.4.5 जातीवादी

कांय तियात्रांनी जातीवाद करपी राजकी फुडाऱ्यांचीं पात्रां आयल्यांत. देखीक: *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत चिमुलकार हो बामण समजांतलो राजकी फुडारी. ताची चली सुदीर समाजांतल्या रवीच्या मोगांत आसता. चिमुलकार तांच्या मोगाच्या प्रकरणाक आडखळ हाडटना रवीक विचारता, "आरे तूं जाणाय की शिला एका बामण कुटुंबांतली चली म्हूण?..." (4/153).

भारतांत जाती वेवस्था आसा. आदल्या काळार जाती-भेदाक लागून जायत्या प्रमाणांत सोंसचें पडटालें. समाज क्रांतिकाऱ्यांनी ह्या असल्या समाजीक वायटाचेर निशेध मारलो. तांच्या ह्या वावराक लागून जाती भेदभाव खूब प्रमाणांत उणो जाला. आतांच्या काळार जातीक लागून भेदभाव उकतो दिसना जायत पूण भितरल्यान ताचीं पाळां-मुळां जिवंत आसात तीं अणभवपाक मेळटात. राजकारणी, जे समाजाचे फुडारी आसतात ते, वेंचणुके वेळार आपूण जाती मानपी न्हय म्हूण दाखयतात पूण आपले कुटुंबीक जिणेंत जातिवाद करतात तें ह्या तियात्रांत उजवाडाक आयलां.

### 5.4.6 फूट घालपी

लोकां मदीं फूट घालतात तसले राजकी फुडारी कांय तियात्रांनी पडबिंबीत जाल्यात. देखीक: *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत चिमुलकार (हिंदू) आनी रापोजो (क्रिस्तांव) ह्या राजकी उमेदवारांचें चित्रण आयलां. हे दोगूय उमेदवार वेंचणुके वेळार घरा-घरांनी वचून प्रचार करतना धर्माच्या नांवान आपल्याकूच मत दिवपाक सांगतात. इतलेंच न्हय, बाप्पा आनी रोजीन जीं शांतिकायेन जियेतालीं तीं एकामेका आड जावपाक पावतात.

रोजीन म्हणूक पावता, “हे हिंदू आमकां क्रिस्तांवांक नास कोरूक सोदतात” तशेंच बाप्पा म्हणटा, “… क्रिस्तांवांक पातयेनाकाय. ते गोंय आपलें क्रिस्तांवांचें राज करूक सोदतात खंय” (4/146).

मनशां वेगवेगळ्या धर्मांनी वांटून गेल्लीं आसात. मनशांक आपापल्या धर्मा विशीं अभिमान आसता. खंयच्याय धर्मा विशीं कोणेंय मनशान कितेंय वांकडें-तिकडें उलयल्यार त्या धर्माच्या लोकांची भावना दुखावता. राजकी उमेदवार आपल्या फायद्याक लागून धर्मां मदें फूट घालतात. ह्या कारणाक लागून धर्मां-धर्मां मदें शांतीचे बांदपास तुटपाक पावतात. अशे तरेन ह्या तियात्रांत फुटी घालपी राजकारण्यांचें रूप उगतें जालां.

### 5.4.7 पक्षपाती

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या कांय तियात्रांत पक्षपाती (Nepotism) राजकी फुडारी चित्रीत जाल्यात. देखीक: *‘समाज सेवा’* ह्या तियात्रांत मंत्री रापोजो गांवांत रस्ते दामरावपाचे आसात जाल्यार कोंत्राद आपल्या भावाकूच दिता. गांवांत ‘फॅर प्रायस शॉप’ चलोवपाक आपले मिवणेक दिता. गांवांत बसी घालता तेन्ना बसीचें परमीट आपल्या घरच्यांक दिता. अशे तरेन मंत्री रापोजो आपल्या कुटुंबा सवें पक्षपात करता. ह्या असल्या पक्षपाताक लागून फॅलिक्स हो तरणाटो रापोजाक विरोध करून आपूण वेंचणुकेक उबो रावता तेन्ना सांगता, “…समाज सेवेच्या नांवान आपल्याच कुटुंबाचें बरेपण करप हो समाज सेवेचो खून. जो मनीस आपलो फायदो विसरून लोकाच्या बऱ्याक वावर करता ताकाच की समाज सेवा म्हणटात. ते खातीर हांव मागतां, खरी समाज सेवा गांवांत भितर सरूक तुमचीं मतां फकत म्हाकाच दियात…” (1/113).

राजकी फुडारी कांय फावटीं समाजाचें बरें करचे बदलेक आपल्याच कुटुंबाचें बरें करतात. आपल्या लागशिल्ल्यांक जें फावोनासलें तें आपल्या अधिकारा वरवीं फावो करतात आनी हे वरवीं जाका फावो आसलें ताचे सवें अनीत करतात. लेखकान असल्या पक्षपाती मंत्र्यांची वागणूक चित्रीत केल्या. पक्षपाती जीवन जगप म्हणल्यार समाज सेवेचो खून करप असो संदेश ह्या तियात्राच्या माध्यमांतल्यान मेळटा.

### 5.4.8 भ्रश्टचारांत बुडून रावपी

लेखकान भ्रश्टाचारांत बुडून रावतात तसले मंत्री चित्रायल्यात. देखीक: *'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांत भानगोडकार नांवाचो बिल्डर कोन्सूची जमीन बेकायदेशीरपणान आपल्या नांवार करून घेता. ही अनीत आडावपाक संबंदीत व्यक्तींची मंत्र्या कडेन बसका आसता. पयली संबंदीत व्यक्ती तलाठी, जाणें भानगोडकाराचें बेकायदेशीर काम करपाक पयशे घेतिल्ले. तलाठी आपले वयलो गुन्यांव सरपंचाचेर झाडून उडयता. सरपंच आपले वयलो गुन्यांव मंत्र्याच्या मेवण्याचेर घालता आनी मेवणो शेवटाक सांगता, "कुन्याद, तुंवेंनूच सांगलोलें नूय माका तशें करून घे म्हूण?" (2/192).

मनीस जें आपूण चिंत्ता तें खरेपणीं साकार जाल्लें पळोवंक आंवडेता. मनशाचे आंवडे केन्ना बरे आसतात जाल्यार केन्नाय आडगां-नाडगांचे. आपले आंवडे साकार करूंक मनीस वेगवेगळे उपाय करता. कांय फावटीं मनशाचे आंवडे आडगां-नाडगांचे आसतात तेन्ना मनीस वांकडे उपाय चालीक लावन आपूण येसस्वी जावंक अशेकता. अशे तरेचे अशेक मनांत दवरून एक मनीस आपलो आंवडो साकार करूंक सोदता त्या वेळार दुसरो मनीस ताका सहकार दिता तेन्ना तोय मनीस तसल्या वायटांत वांटेकार जाता. कांय फावटीं ही वायटाची सांखळ एका मनशा कडल्यान साबार मनशां कडेन पावता. असल्या वायटाक भ्रश्टाचाराची सांखळ अशें म्हणूं येता. समाजांत असली वायटाची

सांखळ राजकी फुडाऱ्यां मेरेन पावता तें लेखकान वयले देखी वरवीं दाखोवन दिलां. भ्रश्टाचाराची सांखळ समाजांत आसप म्हणल्यार समाजाचें नश्ट जावप अशे तरेचो विचार ह्या तियात्रांतल्यान व्यक्त जाला.

### 5.4.9 दोन तोंडांचे

लेखकान कांय तियात्रांनी दोन तोंडांचे राजकारणी दाखयल्यात. देखीक: *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांत दोतोर हें पात्र वेंचणुके वेळार पत्रकाराक मुलाखत दितना आंतरधर्मीक लग्नां संबंदीं म्हणटा, "गरज पडल्यार हांव परियान एका हिंदू चेडवा लागीं काजार जावन दुसऱ्यांक वाट दाखयतलों" (5/23). फुडें ह्याच दोतोराची भयण एका हिंदू चेड्या लागीं लग्न जावंक सोदता तेन्ना होच दोतोर आपूण उलयिल्लीं उतरां उरफाटीं करून उलयता, "मारिया, म्हजे भयणी, पिशें तूं. इट्स् अ पॉलिटिकल स्टण्ट. हांव एलेसांवाक उबो रावलां म्हणटोच म्हाका हिंदूंच्या मतांची गरज आसा आनी हाकाच लागून हांवें त्या पत्रकाराक तशें सांगलां. तातूंत सत कांयच ना" (5/23).

समाजांत आरतें-परतें उलयतात तसले मनीस मेळटात. लोकां मुखार उलयतना समाजाक आवडटलें आनी फायद्याक पडटलें तशें उलयतात.  ते उपरांत आपल्याक फायद्याक पडटा तें मतींत दवरून आपूण उलयलां ताचे उरफाटें उलोवपाक तयार आसतात. अशे तरेचे व्यक्तीक दोन तोंडांची वा ढोंगी म्हणटात. लेखकान चित्रायिल्ले दोतोर ह्या उमेदवाराचें पात्र दोन तरांनी उलयता आनी वागता तें चित्रीत केलां. दोन तोंडांचो वा ढोंगी राजकारणी आसप म्हणल्यार समाजाक घातक अशे तरेची शिकवण ह्या तियात्रांत आसपावल्या.

### 5.4.10 अपराधी

खुनी वा खुनाचो प्रयत्न करपी, अपहरण करपी, बलात्कारी, डाकू-लुटारू अश्या राजकी फुडाऱ्यांच्या रुपांची गजाल *'नोवी दिशा'* तियात्रांत आयल्या. ह्याच तियात्रांत उमेदवार मार्गारिदा आपल्याचेर कसले आरोप आसात तें एफिडॅवीट करून सांगता. मार्गारिदाचेर केशी आसतात त्यो समाज सेवेच्या वावराक लागून केल्ल्यो आसतात जाल्यार उमेदवार कोरदेरोचेर खुनाचो प्रयत्न करपी आनी अपहरण करपी म्हणून केशी नोंद जाल्यात तें ह्या तियात्रांत चित्रीत जालां.

समाजांत नीत-शांती हाडूंक वावुरपी, तत्वां-मुल्यांची राखण करपी, संस्कृताय-नैतीकताय सांबाळपी अश्या गुणांनी भरिल्ले राजकी फुडारी आसूंक जाय. समाजाचो विकास करपाक तांच्यांत धडधडप आसप म्हत्वाची, पूण हेच राजकी फुडारी अपराधी जावन जगपाक लागले जाल्यार समाजाची दशा कसले तरेची जावपाक पावतली?, असो तरेचो प्रस्न ह्या तियात्रांत नियाळपाक मेळटा.  खऱ्या मनान समाज राखपी, सांबाळपी आनी सेवा करपी राजकी फुडाऱ्यांची समाजाक गरज आसा अशे तरेची अपेक्षा ह्या तियात्रांत दिसता.

### 5.4.11 कायदे मोडपी

*'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांत कायदे करपीच आपल्याक जाय ते तरेन कायदे मोडटात तें चित्रीत जालां. देखीक: मंत्र्याचो मेवणो फ्रॅन्को हाणें मारिया हे तरणाटे चलयेचो विनयभंग केला म्हणून, पुलीस ताका बंदखणींत घालतात. पुलीस सताचे वाटेन चलून आपलें काम कायद्या प्रमाण करतात पूण मंत्री ह्या कायद्यान चलतल्या पुलीस इंस्पेक्टराक आय.जी.पी. कडल्यान आदेशपत्र धाडटा. तातूंत "यू आर ट्रान्स्फर्ड वीथ इमिडियेट इफॅक्ट" (2/184) अशें बरयिल्लें आसता. ह्याच तियात्रांत भानगोडकार जो

दुसऱ्यांची जमीन आपल्या नांवार करून सात माळयांची बिल्डींग बांदपाक मान्यताय मेळोवन घेता, उदका खातीर परवानगी आनी बिजले खातीर परवानगी, रावपा खातीर परवानो आदी हें सगळें आदीं फुडेंच कांयच तपासणी नासतना ताका मेळटा. हें सगळें जावपाक मंत्री कोरदेरो कारणीभूत आसता.

कायदे मनशाच्या बरेपणा खातीर केल्ले आसात. कायद्याक लागून समाजांत न्याय आनी नीत मेळपाक पावता. कायद्यांक लागून मनीस सुरक्षीत उरता. समाजांत कायदे करपी आनी कायदे पाळपी मेळटात. कांय फावटीं कायदे मोडपी मनशां समाजांत पळोवपाक मेळटात जाल्यार कांय फावटीं कायदे करपीच आपल्याक जाय ते तरेन कायदे मोडटात ते दिसतात. वयर उल्लेख केल्ले देखींत मंत्री आपल्याक जाय तशे कायद्यां कडेन खेळटात तें लेखकान दाखयलां. अशे तरांच्या मंत्र्यांक लागून कायद्याचो लाब मनशाक मेळपाक पावना आनी समाजांत न्याय आनी नीत एक कठीण गजाल जावपाक पावता तें ह्या तियात्रांत उजवाडाक आयलां.

### 5.4.12 आश्वासनां दिवन तीं मोडपी

*'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत वेंचणुके वेळार उमेदवार साबार आश्वासनां दितात ताचें चित्रण आयलां. देखीक बस येरादारी वेवस्थेचें राष्ट्रीकरण करपाचें आश्वासन, मुंडकार कायदो चालीक लावपाचें आश्वासन, कसतल्याची जमीन (कायदो) आनी रांपणकार आनी ट्रॉलर कायदो चालीक लावपाचें आश्वासन. हीं सगळीं वेंचणुके वेळार दिल्लीं आश्वासनां आपल्याच्या फायद्याक लागून कशे तरेन कडेक उडयतात हें बेस बरे तरेन लेखकान मांडलां.

वेंचणुके वेळार दिल्लीं आश्वासनां चालीक लावप हें गरजेचें. वेंचणुके वेळार उतरांची बडबड करप खूब सोंपें पूण तींच उतरां करण्यांच्या रुपान साकार करपाक लोकप्रतिनिधी

कमी पडटात तें लेखकान उजवाडाक हाडलां. आश्वासनां पाळटना राजकारण्यांनी आपल्या फायद्याचें चिंतचे परस समाजाच्या फायद्याचें चिंतप गरजेचें अशी शिकवण त्या तियात्रांत आसपावल्या.

लेखकान आपल्या तियात्रांनी राजकारण्यांचीं अनेक रुपां दाखयल्यांत. हीं रुपां कांय प्रमाणांत बऱ्या स्वभावाचीं आसात जाल्यार चडशीं वायट स्वभावाचीं आसात. बऱ्या स्वभावाचे राजकारणी बरें करूंक वतात तेन्ना वायट स्वभावाचे राजकारणी तांकां चेपून धरतात ताचें चित्रण आयलां. वायट स्वभावाच्या राजकारण्यांक लागून समाजाची उदरगत कडेक उरता तें तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी उजवाडाक आयलां.

लेखकान सेवा पुरस्कारी राजकी फुडारी पडबिंबीत केल्यात. लेखकान चित्रीत केल्ले लोकप्रतिनिधी दोतोर, शिक्षक, आदवोगाद  अशे उच्च शिक्षीत आसात, तशेच, शिक्षण नाशिल्ले लोकप्रतिनिधीय चित्रीत केल्यात.

मंत्री नोकरी विकून काळो पयसो एकठांय करतात तें दिसता. हे मंत्री जातीवाद करून भेदभावाच्यो वणटी उबारतात, धर्माच्या नांवान आपल्याक मतां मेळोवन घेवपाक फूट घालतात, राजकी अधिकाराचो गैरवापर करून पक्षपाताक बळी पडल्यात तें लेखकान दाखयलां. कांय राजकारणी भ्रश्टाचाराची सांखळ लांब करून समाजांतलो भ्रश्टाचार वाडयतात उलोवप एक आनी करप दुसरेंच अशे ढोंगी वागणुकेन जगतात तें नियाळपाक मेळटा. खून वा खुनाचो प्रयत्न, अपहरण, बलात्कार, चोरी-लूट आदी अपराध करून वागतात असल्या राजकारण्यांचें जीवन पडबिंबीत केलां. कायदे करपीच कायदे मोडपी जातात आनी आश्वासनां पाळिनात तसले राजकारणी चित्रीत जाल्यात. अश्या कांय वायट सभावाच्या राजकी फुडाऱ्यांचीं पात्रां लेखकान वापरल्यांत आनी ते वरवीं हारसो दाखोवन राजकारणांतली फटींगपणाची वागणूक उजवाडाक हाडल्या.

### 5.5 राजकारणांतले परिणामकारी घटक

वेंचणूक कशी जिखप हो एक मोटो प्रस्न उमेदवारां सामकार उबो आसता. वेंचणूक जिखप म्हणल्यार राजकारणाचें आनीक एक सोंपण चडप. वेंचणूक जिखपाक तशेंच फुडें राजकारण चलोवपाक उद्देगपती, स्थलांतरीत लोक, धर्मीक फुडारी, तरणाटे आदी घटक परिणामकारी आसतात अशें लेखक तियात्रांत दाखयता. हे परिणामकारी घटक अशे:

#### 5.5.1 धर्मीक फुडारी

धर्मीक फुडाऱ्यांनी राजकारणांत मिसळ जावचें काय कितें हो एक वादाचो विशय. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत ह्या वादा विशीं मत व्यक्त जाल्लें आसा. ह्या तियात्रांत पाद्र विगार, विनोदा खातीर उमेदवारीची तिकेट मागूंक पक्षाच्या अध्यक्षा कडेन वता तेन्ना पक्षाचो अध्यक्ष पाद्र विगाराक म्हणटा, "पाद्र विगार, तुमचें काम धर्म परगटपाचें, तुमचो वावर जेजू क्रिस्ताची शिकवण शिंपडावपाचो. तुमचें कर्तव्य निरादारांक आदार दिवपाचें. तुमकां इतलीं म्हत्वाचीं कामां आसताना, तीं थंयच सोडून राजकारणांत मिसळ जावपाक कोणें सांगलां?" (2/35). ह्या प्रस्नाक राजकी उमेदवार विनोद जाप दिता:

पाद्र विगार, हें एका नांवलोवकीक पक्षाच्या अध्यक्षान तुका म्हणटलें? पाद्रींनी राजकारणांत पडचें न्हय म्हूण खंय बरयल्लें आसा? भारताचे उदरगतीक पाद्री-माद्रींनी खूब आदार दिल्लो आसा. खेड्यां-खेड्यांनी शाळा उगडून शिक्षणाची दिवटी पेटोयल्ली आसा. गरीब जनतेची सेवा करून, हॉस्पिटलां आनी आजिलां बांदून दुयेंतीक आनी जाणट्यांक आसरो दिल्लो आसा. राजकारणी फुडाऱ्यां परस पाद्रींनी आनी माद्रींनी

देशाचो अदीक वावर केल्लो आसा. आनी तांच्यानी राजकारणांत वांटो घेवं नजो? (2/35).

पक्षाचो अध्यक्ष म्हणटा, "पाद्रींनी राजकारणांत पडचें न्हय" आनी विनोद म्हणटा, "पाद्रींनी राजकारणांत पडचें न्हय अशें खंय बरयिल्लें आसा?" ह्या संवादांतल्यान *'धर्मीक फुडाऱ्यांनी राजकारणांत मिसळ जावं येता वा ना'* असो वाद उपरसता.

विनोदाच्या संवादांतल्यान ह्या वादा विशीं मत व्यक्त जालां तेन्ना पाद्रीन राजकारणांत मिसळ जावं येता अशें स्पश्ट जाता. हें ताचें मत क्रिस्ती धर्मीक शिकवणे प्रमाण कशें-कितें ?

पवित्र सभा आनी राजकारण समाजाच्या कल्याणा खातीर वावुरतात. तांचें कार्य एकसारकें आसलें जाल्यारूय पवित्र सभा आनी राजकारण स्वतंत्र (independent) आनी स्वयंशासीत (autonomous) स्वरुपाचीं आसात. ह्याच स्वरुपाक लागून पवित्र सभा खंयच्याच राजकी पक्षा कडेन संबंद दवरिना. पवित्र सभेन वा धर्मीक फुडाऱ्यान राजकी उमेदवाराक उकतेपणी मुखार काडपाक जायना. तशें करप म्हणल्यार धर्म प्रचार करपाचें मुखेल मिसांव फिसकटून वचूं येता. कारण उमेदवाराक मुखार काडपी पाद्रीचे सेवे खाला आशिल्ल्या लोकां मदलो कांय लोक दुसऱ्या उमेदवार लागींचो आसूं येता. हाका लागून लोकां मदें फूट पडपाक शक्यताय आसता. तशेंच मुखार काडिल्लो उमेदवार वेंचून आयले उपरांत भ्रश्टाचाराचो शिकार जावं येता. असले परिस्थितींत पवित्र सभा आपले शिवकणेक गवाय जावंक पावची ना. ही अशे तरेची शिकवण कातोलीक डॉट ऑर्ग ह्या ब्लॉगाचेर *'Why the Church Does Not Endorse Candidates'* ह्या माथाळ्या खाला इस्वरुपी प्रकाशीत जाल्ल्या लेखांत मेळटा. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांतलो पाद्री राजकी उमेदवाराक (विनोद) उकतेपणी

मुखार काडटा तें दाखयलां. हो तियात्र पाद्रींची बाजू घेता हें खरें आसलें जाल्यारूय पवित्र सभेचे शिकवणे प्रमाण तशें करप चुकीचें म्हणपाचें थावें जाता.

भावार्थ प्रगटावंक, समाजीक तत्वां शिकोवपाक, समाजांत चलतल्या वायटाचेर निशेध मारपाक, मनशाचे मुळावे हक्क राखपाक पवित्र सभेक मेकळेपण आसूंक जाय अशें 'गावदिउम एत स्पॅस' ह्या पवित्र सभेच्या दाखल्यांत नोंद जालां (Flannery 76). ह्या दाखल्या प्रमाण पवित्र सभेक वेंचणुके वेळार आपल्या भावार्थ्यांचें अंतस्कर्ण तयार करप हो नेम कसो लागू जाता. तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्लो पाद्री भावार्थ्यांचें अंतस्कर्ण तयार करपाक कमी पडटा तें दिसता.

धर्मीक फुडाऱ्यांक समाजीक जबाबदारी आसा ह्या नात्यान तांच्यांनी राजकारणांत मिसळ जावं येता अशें हो तियात्र सांगता. हो तियात्र तांच्या समाजीक वावराची दखल घेता आनी तांकां राजकारणांत मिसळ जावपाक अधिकार ना काय म्हणून विचारता. पवित्र सभेची शिकवण मात धर्मीक फुडाऱ्यांक राजकारणांत प्रत्यक्ष वांटो घेवपाचेर बंदी घालता. ह्या तियात्रांत ही शिकवण दोळयां आड जाल्या तें थावें जाता.

### 5.5.2 तरणाटी पिळगी

राजकारणांत तरणाटे आसप म्हणल्यार संघर्श आसप आनी नवी दिशा मेळप. हे विशीं तोमाझिन्यु कार्दोजान कांय तियात्रांनी वेगवेगळे विचार मांडल्यात ते अशे आसात:

#### 5.5.2.1 तरणाट्यांचो संघर्श

*'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत शर्ली नांवाचें तरणाटें आसा. हें शर्ली तरणाट्यांच्या फुडारपणाचें प्रतिनिधित्व करता. ह्या पात्राच्या काळजांत देशप्रेम दिसता. देशाचे फुडारी सुवार्थान भरल्यात आनी भ्रश्ट जाल्ले आसात तें पळोवन शर्ली निराशी जाता. देशांत जें

वांकडें-तिंकडें चल्लां ताची तें दखल घेता. अण्णा हजारे ह्या समाज सेवकान जी भ्रश्टाचारा आड चळवळ चलयिल्ली तिचें वारें शर्ली ह्या तरणाट्याचे वागणुकेंत दिसून येता. हें तरणाटें राजकी क्षेत्रांतलो भ्रश्टाचार सोंपोवपाक येसस्वी जाता.

लेखकान शर्ली हें पात्र चित्रीत करतना एक धाडशी तरणाटें दाखयलां. हें शर्ली लोकप्रतिनिधीची भ्रश्टाचारी वागणूक बदलून तांणी सतान, नितीन, प्रामाणीकपणान चलचें म्हणून सांगूंक आपल्या काळजीदारपणाचो उपेग करता. लेखक शर्लीच्या पात्रा वरवीं राजकारणांत जें कितें भ्रश्ट जालां तें निवळ करपाचो प्रयत्न करता. शर्लीचें पात्र उबें करून समाजांत असल्या धाडशी तरणाट्यांची समाजाक गरज आसा अशें लेखक सांगता.

*'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत मायकल, रवी, नॅन्सी आनी शिला हीं चार तरणाटीं शर्ली भाशेन आपलो आवाज उठयतात. हेच तरेन *'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांत मारिया आनी जॉनी हीं तरणाटीं पात्रां राजकी भ्रश्टाचारा आड झुजपाक ब्रागांजा आंकलाक सांगात दितात. कांय फावटीं तरणाटीं आपल्याच संवसारांत गुल्ल जावंचे परस समाज-विकासाच्या संवसारांत गुल्ल जातात तीं पळोवपाक मेळटात. अशे तरेचीं तरणाटीं समाजांत बरेपण हाडपाक कारणीभूत जातात ताचें चित्रण लेखकान केलां.

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या कांय तियात्रांनी तरणाटे वेंचणूक लडयतात ताचेंय चित्रण आयलां. देखीक, *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत तरणाटो विनोद वेंचणुकेक उबो रावन जिखता. जिखले उपरांत पासून तो आपल्या बराबरच्या फटींग मंत्र्यांच्या तोंडार सत सागपाक फाटीं रावना. तशेंच *'समाज सेवा'* ह्या तियात्रांत तरणाटो फॅलिक्स आदल्या भ्रश्टाचारी मंत्र्याक टक्कर दिता.

अशे तरेन तोमाझिन्यु कार्दोजान तरणाट्यांक राजकी मळार पडबिंबीत करतना चड करून संघर्शमय रुपडें घालून प्रदर्शीत केल्यात. देखीक: शर्ली, विनोद, फॅलिक्स, मायकल, रवी, नॅन्सी, शिला, लिली आदी.

### 5.5.2.2 राजकी फुडाऱ्यांच्या भुरग्यांची वागणूक

शिला, नॅन्सी आनी लिली हीं राजकी फुडाऱ्यांचीं तरणाटीं भुरगीं. शिलाचो बापूय तशेंच नॅन्सीचो बापूय वेंचणुकेच्या वेळार धर्माच्या नांवान मतां मेळोवंचे आशेन समाजांत फुटी घालूंक सोदतात तेन्ना तीं दोगांय जाणां आपापल्या बापांयक विरोध करतात. तशेंच *'समाज सेवा'* तियात्रांत लिली आपल्या मंत्री बापायक सांगता, "डॅडी म्हाका दुख्ख भोगता सांगोंक की म्हजें मोत पासून हांव फॅलिक्साक (तरणाटो उमेदवार) दितोलीं" (1/114). लिली आपल्या बापायचे भ्रश्टाचारी वागणुकेक विट्टा तें लेखकान चित्रीत केलां.

लेखकान उजवाडाक हाडिल्लीं राजकी फुडाऱ्यांचीं तरणाटीं सतान, नितीन, प्रामाकणीपणान अश्या तत्वां-मुल्यांनी भरिल्लीं आसात. ह्या तरणाट्यांक फटींगपण, धर्मवाद, भ्रश्टाचार... अशे तरेचें वायट कशेंच सोंसना. आपलो बापूय पासून ह्या वायटाक बळी पडटा जाल्यार तीं खऱ्या तत्वां-मुल्यांक पयलो जागो दितात. नश्ट्या आनी भ्रश्ट राजकारणाचो प्रतिकार करून राजकारण निवळ करपाचो आंवडो ह्या तरणाट्यां वरवीं लेखकान आपल्या तियात्रांनी उकतायला.

लेखकान चित्रीत केल्लीं राजकी फुडाऱ्यांचीं तरणाटीं एके वटेन सतान, नितीन, प्रामाकणीपणान भरिल्लीं आसात जाल्यार कांय तरणाटीं वायटाचीं शिकार जाल्लीं आसात हें लेखकान उजवाडाक हाडलां. *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत तरणाटें एण्ड्रिया आपल्या मंत्री बापायक म्हणटा, "... हांव जाणा सगळो लोक तुका मोस्ट करप्ट

मिनिस्टर म्हणटा म्हणोन. हांव जाणा तूं ब्रायब घेतल्या शिवाय कोणाचेंच काम कोरिना मुणोन. आनी डॅडी हांव हेंवूय जाणां की राजकारणांत भ्रश्टाचार आनी फोटींगपणां केल्या शिवाय बगर बगर एलेसांव जिखोंक जायना मुणन, ते खातीर डॅडी डोण्ट वरी...” (3/173). आपल्या बापायची भ्रश्टाचारी कर्तुबां जाणा जावन एण्ड्रिया आपल्या बापायक सांगात दिता. हेच तरेन ह्याच तियात्रांत शॉन आपले मंत्री आवयक आपल्या भ्रश्टाचारी कर्तुबांत भागीदार जावंक अशें सुचयता “मामी तूं राजकारणांत जिवीत भोर उरतोली जाल्यार तुंवें दुडू करचेच पडटले...तूं फकत हांव सांगता तशें कोर.. ह्या पांच वर्सां भितर उणेच पन्नास क्रूट रुपया पूण एकठावंकूच जाय” (3/192-193). एण्ड्रिया आपल्या बापायच्या भ्रश्टाचारी पावलांनी चलून आपुणूय राजकारणांत भितर सरता जाल्यार शॉन भ्रश्टाचारी कर्तुबां चालीक लावन दुडू करूंक वावुरता तें लेखकान उजवाडाक हाडलां.

लेखकान हीं चित्रीत केल्लीं तरणाटीं आपल्या पालकां बराबर भ्रश्टाचारी पावलांनी चलतात तें दाखयलां. ह्या तरणाट्यांचो वायट स्वभाव दाखयतना लेखक अशेच तरेन समाजांत आशिल्लीं वायट स्वाभावाचीं मनशां तियात्राच्या हारशांत दाखयता.

तरणाट्यांच्यान समाज घडोवं येता आनी समाज मोडूं येता. तांचें बळगें योग्य वटेन आनी युक्त तरेन वापरलें जाल्यार समाजाचें विकास प्रगती पत्र रंगीत जातलें. तांचें बळगें योग्य वटेन आनी युक्त तरेन वापरलें ना जाल्यार समाजाची दशा चुरचुऱ्यांची जावपाक पावता अशें लेखकान आपल्या तियात्रांनी दाखोवन दिल्लें आसा.

### 5.5.2.3 तरणाट्यां कडल्यान राजकारणाक नवी दिशा

21व्या शेंकड्याच्या पयल्या दसकाच्या शेवटाक *आदर्श हावसींग सोसायटी स्कॅम, 2010 हावसींग लोन स्कॅम, 2 जी स्पॅक्ट्रम स्कॅम* आदी अशे तरेच्यो भानगडी

भारतांतल्या राजकारणांत जाल्यो. राजकी क्षेत्रांत अशे तरेचो भ्रश्टाचार आसा ताचेर आवाज उठोवपाचें धाडस अण्णा हजारे ह्या समाजीक फुडाऱ्यान केलें. जें नश्टें चालंत आसा तें पयस जावचें आनी तातूंतल्यान राजकारण निवळ जावंचें असो हावेस बाळगून 5 एप्रील 2011 ह्या दिसा ताणें भ्रश्टाचारा आड चळवळ उबारली. हे चळवळीक तांकां लोकांचो प्रतिसाद मेळ्ळो. जे कोण भ्रश्टाचारी राजकारणी आसात तांकां ही चळवळ म्हारग पडपाची आसली.

भ्रश्टाचारा आड चळवळ उबारली तेन्ना तातूंत आंदोलकांनी राजकी भ्रश्टाचार उणो जावंचो हे खातीर साबार प्रस्ताव मांडले. उमेदवाराक नाकारपाचो अधिकार (Right to Reject) आनी लोकप्रतिनिधीक फाटीं आपोवपाचो अधिकार (Right to Recall) हे तातूंतलेच दोन प्रस्ताव. तोमाझिन्यु कार्दोजान *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत राजकी क्षेत्रांत नवी दिशा दाखोवपाचो प्रयत्न करतना ह्या दोनूय प्रस्तावांचो उपेग केल्लो आसा. खरें म्हणल्यार हो तियात्र सादर जाला तेन्ना हे दोनूय प्रस्ताव कायद्याच्या रुपान अस्तित्वांत येवंक नाशिल्ले. तरी आसतना लेखकान ते दोनूय प्रस्ताव सरकारी मान्यताय मेळून अस्तित्वांत आयल्यात अशें गृहीत धरून  वापरल्यात.

### 5.5.2.3.1 उमेदवाराक नाकारपाचो अधिकार

*'नाकारपाचो अधिकार'* ही संकल्पना मांडटना तोमाझिन्यु कार्दोज कोरदेरो आनी मार्गारिदा ह्या दोन राजकी उमेदवारांचो उपेग करतात. कोरदेरो पुरायपणीं भ्रश्टाचारी स्वरुपाचो जाल्यार मार्गारिदा कोरदेरो परस उण्या प्रमाणांत भ्रश्टाचारी आसता. कोरदेरो खरें म्हणल्यार पंद्रा वर्सां मंत्री कसो वावुरला तरी आसतना हे फावटीचे वेंचणुकेंत भिरांतेन भरून तो सुस्कारता, "आयकात आदल्या एलेसांवांक एक वोटर आपल्याक उमकोच उमेदवार जाय म्हण आपलें मोत दितालो. येता त्या एलेसांवांक एका वोटरान आपल्याक अमकोच उमेदवार नाका म्हणोनूय मोत दिवं येता. म्हणचें वोटरान आपलो

नेगेटीव वोट दिवपाक जाता. नाकारपाचो अधिकार हो कायदो लागू केला" (3/170). इतलेंच न्हय, ताची भिरांत आनिकूय वाडिल्ली दिसता कारण ह्या एलेसांवांक उमेदवारान सोपुता खाला आपलो एफिडॅवीट दिवंचो आसलो. ह्या एफिडॅविटाचेर आपल्यो कितल्यो किर्मी नोंद जाल्ल्यो आसात, कितल्या भानगडींनी आपूण फारावलां, आपले लागीं कितले पयशे आनी कितली गिरेस्तकाय आसा अशे तरेची खासगी म्हायती दिवंची आसली. हे म्हायतीची 'फेस टू फेस' हे कार्यावळी वरवीं तपासणी करप सक्तीचें आसलें. कोरदेरोचो एफिडॅवीट अशे तरेन वाचपाक मेळटा:

हांव फेर्नांदो कोरदेरो सोपुता खाला सांगतां की बैन्कांत म्हजे 3 क्रूट रुपया आसात, म्हजे धुवेच्या नांवार 80 लाख रुपया आसात. म्हजें एक घर आसा ताचो वालोर 50 लाख रुपया जाता आनी त्या शिवाय कालांगूट, कांदोलीं, म्हापसा आनी पणजे म्हजीं 11 फ्लॅटां आसात तांचो वालोर आगळो उणो 10 क्रूट रुपया. म्हजीं तीन फार्म हावसीस आसात- वालोर 3 क्रूट आनी बेळगांवां एक हजार हॅक्टर जमीन आसा ताचो वालोर 70 लाखा आसा. त्या शिवाय पुलीस चौकेर 9 एफआयर रजिस्टर केलोले आसा, तातुंतले तीन एकस्टॉर्शन ऑफ मनी, दोन एटेंप्ट टू मर्डर, 4 ट्रॅस्पासींग एण्ड असॉल्ट, त्या शिवाय हाय कोर्टान एक केश चालू आसा-किडनॅपींग ऑफ ध कॅण्डिडेट... (3/186).

लेखकान *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत *'नाकारपाचो अधिकार'* हाचो वापर केला. ह्या अधिकाराक लागून भ्रश्टाचार उणो जाता ताचें चित्रण लेखकान केलां. ह्या तियात्रांत हो अधिकार चालीक लायतना एक चुकीचो समज दिसता. देखीक: वयर उल्लेख केल्लें कोरदेरो हें पात्र, "...येता त्या एलेसांवांक एका वोटरान आपल्याक उमकोच उमेदवार नाका म्हणोनूय मोत दिवं येता..." अशें म्हणटा. ह्या संवादांत कोरदेरो *'उमकोच उमेदवार'* हीं उतरां वापरता. हीं अशे तरेचीं उतरां कोण एकल्या उमेदवाराची खबर करतात. खरें म्हणल्यार *'नाकारपाचो अधिकार'* हें कलम मतदाराक सगळ्या

उमेदवारांक नाकारपाचो अधिकार दिता. हें नाकारप सगळयां उमेदवारांक लागू जाता आनी न्हय *'उमकोच उमेदवार'* अशें *'Right to Vote and Right to Reject all Candidates in Election'* ह्या लेखांत आसा. लेखकान चित्रीत केल्लें कोरदेरो हें पात्र कायद्याचे फास्के भायर वचून कायद्यांत ना तें आसा अशी समजणी करून दिता.

### 5.5.2.3.2 लोकप्रतिनिधीक फाटीं आपोवपाचो अधिकार

*'फाटीं आपोवपाचो अधिकार'* हो अधिकार तोमाझिन्यु कार्दोजान *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत चित्रीत केला. कोरदेरो पुरायपणीं भ्रश्टाचारी आसता जाल्यार मार्गारिदा कोरदेरो परस उण्या प्रमाणांत भ्रश्टाचारी आसता. नाकारपाच्या अधिकाराक लागून कोरदेरो हारता आनी मार्गारिदा जैतीवंत जाल्ली आसता. थोड्याच काळा भितर मार्गारिदाच्यो भ्रश्टाचारी करण्यो खूब वाडटात. असल्या वेळार शर्ली लोकप्रतिनिधीक फाटीं आपोवपाचो अधिकार वापरांत घालून मार्गारिदाक राजकारणांतलें भायर उडयता.

अण्णा हजारेची चळवळ 5 एप्रील 2011 ह्या दिसा सुरू जाली. *'नोवी दिशा'* तियात्र 30 ऑक्टोबर 2012 ह्या दिसा तियात्र सर्ती खातीर सादर जालो. चळवळींतले विचार लेखकान रोखडोच आपल्या *'नोवी दिशा'* तियात्रांत आसपावून घेतलां तें थावें जाता. समाजांत जें कितें घडटा तें लेखक रोखडोच पडबिंबीत करता तें दिसता. लेखकाचे चडशे तियात्र हेच तरेन त्या त्या काळाचो संदर्भ घेवन येतात.

अण्णा हजारेची चळवळ दिल्लींत सुरू जाली आनी भारताच्या कोनशा-कोनशांनी पावली. गोंयांतूय ती चळवळ कांय जाणांनी चलयली. हेच चळवळीचो प्रभाव *'नोवी दिशा'* तियात्रांतले कथेचेर पडला.

नाकारपाचो अधिकार आनी फाटीं आपोवपाचो अधिकार हे कायदे लागू आसात अशी कल्पना करून लेखकान राजकी क्षेत्रांत एक नवी दिशा दाखोवपाचो प्रयत्न केला.

*‘नोवी दिशा’* हो राजकी स्वरुपाचो तियात्र पुरायपणीं काल्पनीक आसलो तरी राजकी क्षेत्रांत जो भ्रश्टाचार आसा तो नितळ करपाचो आंवडो तातूंतल्यान व्यक्त जाला.

राजकी क्षेत्रांत जें भ्रश्ट आसा ताचेर आवाज उठोवपाचें धाडस अण्णा हजारेन केलें. जें भ्रश्ट चलता तें ना जावचें आनी तातूंतल्यान राजकारण निवळ जावचें हें तांचें सपन आसलें. हें अण्णा हजारेचें सपन *‘नोवी दिशा’* ह्या तियात्रांत खरें जालां अशें लेखक काल्पनीक कथानका वरवीं दाखयता.

लेखक राजकी क्षेत्रांतलीं तरणाटीं पात्रां चित्रारतना ह्या तरणाट्यांच्या काळजांत देशाचो मोग आसा अशी भुमिका घेता. हीं तरणाटीं भ्रश्टाचाराक विट्टात तें दाखोवन दिता आनी वायटाचेर निशेध मारपाक तांच्या आंगांत बळ आसा म्हणपाचें दाखयता. गरज पडल्यार हींच तरणाटीं आपूण वेंचणूक लडोवन समाजांतलें वायट सोंपोवंक तयार जातात. ह्या चित्रणा वरवीं लेखक वास्तव जिवितांत तरणाट्यांक देखदिणीं तरणाटीं आनी आदर्श तरणाटीं लेखून समाजांत असल्या संघर्शमय तरणाट्यांची गरज आसा अशें सुचयता.

लेखकान राजकी फुडाऱ्यांचीं (तरणाटीं) भुरगीं दोन तरांनी वागतात तीं चित्रीत केल्यांत. कांय तरणाटीं भ्रश्टाचाराक बळी पडल्यांत जाल्यार कांय तरणाटीं भ्रश्टाचारा आड आवाज उठयतात. लेखक राजकी फुडाऱ्यांच्या तरणाटीं भुरग्यांक भ्रश्टाचाराक बळी पडचें न्हय पूण आपलो बापूय वा आवय म्हणून पळयनासतना भ्रश्टाचारा आड आपलो आवाज उठोवपाक प्रवृत्त करता.

नाकारपाचो अधिकार आनी फाटीं आपोवपाचो अधिकार हे कायदे लागू आसात अशी कल्पना करून राजकी क्षेत्रांत तरणाटीं नवी दिशा दितात अशें लेखकान दाखयलां. *‘नोवी दिशा’* हो राजकी स्वरुपाचो तियात्र पुरायपणीं काल्पनीक आसलो तरी लेखक तातूंतल्यान जो भ्रश्टाचार राजकी क्षेत्रांत आसा तो नितळ करपाचो मार्ग दाखयता.

### 5.5.3 राजकारणांत व्यापारी वा उद्देगपतींचो प्रभाव

*'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत रुदोल्फ नांवाचें पात्र व्यापाऱ्यांचें प्रतिनिधित्व करता. पंदरा वर्सां मंत्री आशिल्ल्या कोरदेरोक वेंचणुके वेळार रुदोल्फ मेळटा आनी ताका दोन क्रूट रुपया दिता. उपरांत होच रुदोल्फ कोरदेरो हाचे आड आशिल्ली उमेदवार मार्गारिदाक मेळून एक क्रूट रुपया दिता. दोनूय वटांनी पयशे दिवपाक रुदोल्फाक फायद्याचें दिसता. कारण *'जिखता तो उमेदवार आपलो'* अशे मानसीकतायेन तो जगता. फुडें मार्गारिदा जिखले उपरांत मार्गारिदाक आपल्याक फायद्याक पडटलें मंत्रीपद मेळोवन घेवपाक तो मुखेल मंत्र्याक पासून विकतो घेवंक फाटीं रावना.

व्यापारी वा उद्देगपती हांचो वेव्हार बरे तरेन आनी हुसक्या मेकळो चलतलो जाल्यार तांकां राजकी फुडाऱ्यांचो आलाशिरो खूब म्हत्वाचो आनी फायद्याचो. राजकी फुडाऱ्यांचो सहकार नासतना तांच्या फायद्याचें चक्र घुंवप भोव कठीण. ताका लागून वेंचणूक लागीं पावतां-पावतां व्यापारी वा उद्देगपती हांचेर कांपेरो सुटपाक लागता. वेंचणुकेंत कोण जिखतलो वा कोण हारतलो हाची पारखणी करप भोव कठीण. असले परिस्थितींत व्यापारी वा उद्देगपती राजकी उमेदवारांक आपले वटेन ओडून घेवचे खातीर तांकां क्रुटांनी दुडू दिवंक फाटीं सरनात असलें सत्य चित्र लेखकान पिंतारलां.

वेंचणूक जाले उपरांत कोणाक कसलें मंत्रीपद दिवप हें व्यापारी वा उद्देगपती थारायतात हें लेखक दाखोवन दिता. तें मंत्रीपद आपल्याच मनशाक मेळोवन दिवपाक कितलेय पयशे दिवपाक फाटीं रावनात. व्यापारी वा उद्देगपती आपली पयश्यांची सत्ता वापरून आपल्याक जाय तशें करून घेतात आनी वेंचून आयिल्ल्या लोकप्रतिधीक आपले मुठींत दवरतात. लोकप्रतिनिधी आपल्या हातांत अधिकार आसून पासून व्यापारी वा उद्देगपती हांच्या हुकमाक बळी पडिल्लो दिसता. समाजांत जें कितें राजकी मळार घडटा

तेंच लेखकान आपल्या तियात्रांत चित्रीत केलां. अशें करून लेखक समाजाक आपलें रूप नियाळपाक एक हारसो दाखयता आनी समाजांत जें वायट चलता ताचेर बडी मारता.

### 5.5.4 राजकारणांत स्थलांतरितांचो वांटो

स्थलांतरीत लोक गोंयच्या राजकारणाचो एक म्हत्वाचो भाग अशें तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी दाखयलां. देखीक, *'गोवा गोईंग गॉन'* ह्या तियात्रांत मायग्रण्ट शाहाबुद्दीन म्हणटा, "तुमचे एमएले आनी एमपी पूण तशेंच करतात. मतां जाय म्हण आमच्या लोकाक वयर थावन गोंयां हाडटात, तांकां रेशन कार्ड, व्होटींग कार्ड सगळें दितात. रावपाक जागो परयान दितात. आमचे लोक तांकांच मतां दितात, एमएले आनी एमपी जिखतात..." (4/34). *'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांतूय वेंचणुके वेळार तलाठी मंत्री कोरदेरोक सात हजार स्थलांतरितांचीं मतां पडपाची खात्री दिता (2/198). *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत सांतू हें पात्र राजकारणी चिमुलकाराक प्रस्न करता, ह्या एलेसांवांक तूं जिखतलो म्हण कितें गॅरॅण्टी आसा? तेन्ना चिमुलकार आपल्याक स्थलांतरितांचीं मतां पडटलींच ह्या संदर्भांत जाप दिता, "गेरेन्टी आसा काय म्हणून विंचारताय? आरे हांवें ह्या मतदासंघांत दोनशीं तीनशीं झोंपड्यो घातल्यात" (4/164).

गोंयांत स्थलांतरितांचो आंकडो वाडपाचीं अनेक कारणां आसूं येतात. त्या कारणां मदलें एक मुखेल कारण म्हणल्यार राजकारण्यांचो तांकां चारूय दिकांनी आलाशिरो फावो जाता. हो आलाशिरो दिवपा फाटलो तांचो आपसुवार्थाचो हेत आसता, तो म्हणल्यार वेंचणुके वेळार ह्या स्थलांतरितांनी आपलीं मतां सहजपणीं आपल्याक दिवचीं. गोंयचे मंत्री-आमदार गोंयकारांक पासून कुशीक दवरून स्थलांतरितांचो हुसको पयल्या स्थानार दवरतात ताचें चित्रण लेखकान केलां.

देशा भितर स्थलांतर करप वा देशांतर करप हो आयचे समाजीक स्थितीचो एक म्हत्वाचो भाग जाला. आयज लोक वेगवेगळ्या कारणांक लागून स्थलांतरीत जाल्लो दिसता. गोंयांत मतदारसंघ ल्हान देखून स्थलांतरीत लोक गोंयांत वेंचणुके वेळार खूब प्रभावी थारतात. अमक्या एका मतदारसंघांत खंयचो उमेदवार जिखतलो वा हारतलो हें तांच्या मतांचेर अवलंबून उरता हेंच लेखकान उजवाडाक हाडलां.

## 5.6 निश्कर्श

'तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन' अभ्यासून ह्या भागांत खास करून  राजकी क्षेत्र नदरे मुखार दवरून विश्लेशण केलां. ह्या तांच्या तियात्रांचेर आदारीत सयकल नोंद केल्ले निश्कर्श काडल्यात.

तोमाझिन्यु कार्दोजान खूब प्रमाणांत राजकी स्वरुपाचे तियात्र बरयल्यात हें तांच्या तियात्रांतल्यान  थावें जाता.

'*लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951*' ह्या कायद्यांत वेंचणुके संबंदींच्यो ज्यो भ्रश्ट चाली  आसात त्यो तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या सगळ्याच राजकी तियात्रांनी दिसतात. भ्रश्ट चालींचो  विशय हाताळटना तांचे तियात्र समाजाक एक हारसो दाखयतात आनी वेंचणूक योग्य पद्दतीन जावची असो हावेस बाळगितात.

लेखकान राजकारण्यांचीं अनेक रुपां प्रदर्शीत केल्यांत. हीं रुपां कांय प्रमाणांत बऱ्या स्वभावाचीं आसात जाल्यार चडशीं वायट स्वभावाचीं आसात.

पवित्र सभेची शिकवण मात धर्मीक फुडाऱ्यांक राजकारणांत प्रत्यक्ष वांटो घेवपाचेर बंदी घालता पूण धर्मीक फुडाऱ्यांक समाजीक जबाबदारी आशिल्ल्या कारणान तांच्यांनी राजकारणांत मिसळ जावं येता अशे तरेचो विचार तियात्रांत आयला.

राजकी क्षेत्रांतल्या तरणाट्यांच्या काळजांत देशाचो मोग दिसता आनी हीं तरणाटीं भ्रश्टाचाराक विटून ह्या वायटाचेर निशेध मारतात. हींच तरणाटीं गरज पडल्यार आपूण वेंचणूक लडोवन समाजांतलें वायट सोंपोवंक तयार आसात अशे तरेचें चित्रण लेखकान आपल्या तियात्रांत उजवाडाक हाडलां. लेखकान देखदिणीं आनी आदर्श तरणाटीं दाखोवन, वास्तवांत असल्या संघर्शमय तरणाट्यांची गरज आसा अशें तियात्रांच्या माध्यमांतल्यान सुचीत केलां.

राजकी फुडारी आपल्या हातांत अधिकार आसून पासून व्यापारी वा उद्देगपती हांच्या हुकमाक बळी पडिल्लो आसा अशें तियात्रांत चित्रीत जालां.

स्थलांतरीत लोक गोंयांत वेंचणुके वेळार खूब प्रभावी थारिल्ल्या कारणान खंयच्याय मतदारसंघांत खंयचो उमेदवार जिखतलो वा हारतलो हें तांच्या मतांचेर अवलंबून उरता हाचेर लेखकान उजवाड घाला.

## प्रकरण 6

# तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन: धर्मकारण

### 6.1 प्रस्तावना

सामान्यपणान मनीस देवाचेर भावार्थ दवरून जियेता. मनीस आपलो भावार्थ व्यक्त करतना संवसारांत आशिल्ल्या खंयच्याय एका धर्माचो आलाशिरो घेता. गोंयांत मुखेलपणान हिंदू, क्रिस्तांव आनी मुसलमान अशे धर्म मानपी तीन समाज आसात.

तोमाझिन्यु कार्दोज हे एक गोंयकार. गोंयांत राबितो करून राविल्ल्यान गोंयची धर्मीक परिस्थिती तांच्या ध्यानांत आसा. आपल्या तियात्रांनी तांणी गोंयचे हेच धर्मीक परिस्थितीचो थाव घेतला.

हें प्रकरण दोन मुखेल भागांनी वांटलां. पयलो भाग गोंयचे धर्मीक परिस्थितीचो रूपकार उजवाडाक हाडटा जाल्यार दुसरो भाग क्रिस्तांव धर्माचेर विस्तारान उजवाड घालता.

### 6.2 गोंयचे धर्मीक परिस्थितीचो रूपकार

खास करून *'अर्थ'*, *'आमी सगळे एक'*, *'कांटेच कांटे'*, आनी *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांनी तोमाझिन्यु कार्दोजान गोंयांत आसपाविल्ल्या क्रिस्तांव, हिंदू आनी मुसलमान अश्या धर्मांच्या समाजांक लक्षांत घेतल्यात. ह्या तिनूय समाजां मदें धर्मीक नदरेंतल्यान आचार-विचार, दिवप-घेवप, कशें-कितें जाता हाचेर उजवाड घाला. हो उजवाड घालतना धर्म आनी देव संकल्पना, धर्मीक एकचार, धर्मवाद, आंतरधर्मीक विचार, देवशास्त्रीय प्रस्न आनी मनीस मेले उपरांत कशें-कितें, हें सगळें ध्यानांत घेतलां.

### 6.2.1 धर्म आनी देव संकल्पना

संवसारांत लागीं-लागीं 4,200 धर्म आसात. भारतांतूय धर्मांचें भिरें आसा पूण मुखेलपणान हिंदू, मुसलमान, शीख, क्रिस्तांव, बौध्द, आनी जैन ह्या धर्मांचो आसपाव आसा. गोंयांतूय साबार धर्म आसात पूण प्रमुखपणान हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्तांव धर्म पळोवपाक मेळटात. तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी गोंयांत आशिल्ल्या हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्तांव ह्या धर्मांची दखल घेतल्या.

धर्म म्हणल्यार कितें? मनीस कुळाचो हो एक मुळावो प्रस्न. तोमाझिन्यु कार्दोज *'अर्थ'* ह्या तियात्रांत *'देव'* ह्या पात्राच्या संवादांतल्यान धर्माची व्याख्या दितात, "आरे धर्म म्हणल्यार कितें? धर्म म्हणल्यार मोग, दया, शांती, एकवट आनी भावपण." पूण मनीस धर्माक कशे तरेन लेखता तें हेंच पात्र फुडें स्पश्ट करतना म्हणटा "आनी तुमकां धर्म म्हणल्यार राग, धारुणाय, हिंवसा, फूट आनी दुर्दशा. आरे तुमी धर्म ह्या माहान सब्दाचो अर्थूच मुदार करून सोडलो" (2/156). लेखकान चित्रीत केल्लो समाज धर्मांच्या नांवान झगडीं करतात तें दिसता. धर्म म्हणल्यार दुसऱ्या धर्मांच्या मनशांक वायट करप न्हय पूण दुसऱ्या धर्मांच्या मनशां कडेन मनीसपणान जगप म्हणपाचें सांगता. धर्म म्हणल्यार देवाचेर भावार्थ दवरचे परस तत्वां-मुल्यांची पोसवण करप अशेय तरेचो विचार परगट जाता. धर्माचो खरो अर्थ समजून घेवपाचो संदेश लेखक दिता.

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी हिंदू, क्रिस्तांव आनी मुसलमान देवांचोय संदर्भ मेळटा. ह्या संदर्भांनी देवाची प्रतिमा उजवाडाक येता.

क्रिस्ती भावार्थी देवाक दोतोनींतल्यान वळखून घेतात, संस्कारांतल्यान अणभवतात आनी धर्मीक प्रार्थनांतल्यान भजतात. हे विशीं कार्दोज हांणी आपल्या तियात्रांनी क्रिस्ती देवाचें चित्र उबें केल्लें नियाळपाक मेळटा. बाप, पूत आनी पवित्र आत्मो हे तेगूय मेळून

एकूच देव असो पवित्र सभेचो भावार्थ. हाका लागून क्रिस्तांवांक देव म्हणल्यार त्रियेक देव. क्रिस्ती भावार्थाचें वर्णन करतना लेखकान त्रियेक देवाचें चित्र उबें करूंक ना. तांणी चड करून देव हें उतर वापरांत घालां. तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी जितलें क्रिस्ती देवाचें चित्र उबें केलां तितलें हिंदू देवाचें चित्र उबें जावंक ना. कार्दोज आपूण क्रिस्तांव धर्माचो जाल्ल्या कारणान तांकां क्रिस्ती धर्माची खूब प्रमाणांत वळख आसा हाची गवाय तांच्या तियात्रांनी दिसता.

तांच्या तियात्रांनी हिंदू धर्माचे भावार्थी देवाक अनेक नांवांनी उलो करतात. ‘झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय’ ह्या तियात्रांतलें मोर्तू हें पात्र ह्या संदर्भांत म्हणटा, “विष्णू, ब्रह्मा, आनी महेश आसतना, हांव भुतांची पर्वा करिना” (4/101). हिंदू धर्माच्या देवाच्या चित्रणा परस मुसलमान धर्माचें चित्रण उण्या प्रमाणांत आयलां. *‘अर्थ’* तियात्रांतलें अब्दूल हें पात्र देवाक म्हणटा, “म्हजो देव अल्ला, म्हणटोच तूं म्हजो देव जावं नेजो” (2/144). हांगा अब्दूल एकाच देवाची खबर करतना फकत अल्ला हो म्हजो देव अशें प्रगटायता.

तोमाझिन्यु कार्दोज आपल्या तियात्रांतल्यान देव संकल्पना अशे तरेन मांडटा:

भुरग्यांनो, तुमी चुकल्यात. संवसारांत शेंकड्यांनी धर्म आसात, पूण शेंकड्यांनी देव नात. देव फकत एकूच आनी तो हांव. संवसारांत तूं मुसलमान आसलोल्या कारणान तूं म्हाका अल्ला म्हण नमस्कार करता. तुमी संवसारांत हिंदू आसले देखून तुमी म्हाका ब्रह्मा, विष्णू आनी महेश म्हूणन म्हजी पुजा करताले आनी तुमी संवसारांत क्रिस्ती आसलोल्या कारणान तुमी जेजू क्रिस्त म्हूण भक्ती करताले. आयकात, धर्म कितेंय आसूं, देव फकत एकूच (2/145).

देवाक कितलींय रुपां आनी नांवां आसूं येतात पूण देव एकूच अशे तरेचो विचार वयल्या संवादा वरवीं स्पश्ट जाता. क्रिस्ती आनी मुसलमान धर्म देव एकूच आसा अशें मानतात हाका लागून ही अशे तरेची देव संकल्पना ह्या धर्मांक लागींची म्हणून थावी जाता.

कार्दोज हांकां धर्म म्हणल्यार देवाचेर भावार्थ दवरचे परस तत्वां-मुल्यांची पोसवण करप अदीक मोलाचें दिसता. धर्म म्हणल्यार दुसऱ्या धर्मांच्या मनशांक वायट करप न्हय पूण दुसऱ्यां धर्मांच्या मनशां कडेन मनीसपणान जगप हें ते पटोवन दिवपाचो प्रयत्न करतना मनीसधर्माचो प्रचार करतात. देवा विशीं विचार मांडटना ते साबार देव आसात हें मान्य करिनात. देव फकत एकूच हें सत्य ते उखलून धरतात. ही तांची देव संकल्पना क्रिस्ती आनी मुसलमान धर्मांचे शिकवणेक लागींची आसा तें जाणवता.

### 6.2.2 धर्मीक एकचार

*'कांटेच कांटे'* (1980) ह्या तियात्रांत हिंदू, क्रिस्तांव आनी मुसलमान हांचें चित्रण आयलां. हो तियात्र विनोद ह्या पात्राक केंद्रस्थानार दवरता. विनोद एक शिक्षक जो आपल्या वाठारांत उदार मनान समाज सेवा करता. आपले शेजारी बोस्त्यांव (क्रिस्तांव) आनी अब्दूल (मुसलमान) हांचे कडेन धर्मीक एकचाराचे भावनेन जगता. विनोदाक ताच्या बऱ्या वावराक लागून ताच्या वाठारांतलो सगळया धर्मांचो लोक वेंचणुकेक उबो करता. विनोद अब्दूलाक विचारले बगर कसलोच निर्णय घेना आनी गांवचो पाद्री विगार तर विनोदाक उमेदवारीची तिकेट मेळोवपाक म्हेनतीन वावुरता.

ह्याच तियात्रांत विनोद, अब्दूल आनी पाद्री विगार हीं पात्रां हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्तांव समाजाचें प्रतिनिधित्व करतात. 1980 वर्साच्या सुमाराक जो धर्मीक एकचार आसलो ताचें चित्रण लेखक ह्या पात्रां वरवीं करता. धर्माची शीम हुपून एकचाराचो संदेश ह्या तियात्रांत मेळटा.

*‘आमी सगळे एक’* (1993) हो तियात्र हिंदू आनी क्रिस्तांव धर्मांचो विशय हाताळटा. ह्या तियात्रांत दोन हिंदू आनी दोन क्रिस्तांव कुटुंबां दाखयल्यांत. मुखेलपणान बाप्पा (हिंदू) आनी रोजीन (क्रिस्तांव) हांचो अखंड धर्मीक एकचार आसता. रापोजो (क्रिस्तांव) आनी चिमुलकार (हिंदू) हे राजकी फुडारी आपल्याक मतां मेळोवंचे खातीर हो एकचार तोडूंक पावतात. रापोजो म्हणटा, “आगो रोजीन, ते कोंकणे गोंय महाराष्ट्रान घालूंक सोदतात... आगो रोजीन, ते कोंकणे खंय गोंयची भास मराठी करूंक सोदता… तेच खातीर तुमचीं मोतां म्हाकाच दियात”. तशेंच चिमुलकारूय असलेंच वीख ओंकतना दिसता. “जाणाय मुरे बाप्पा, ह्या क्रिस्तांवांक पातयेवंक जायना. ते आजुनूय पुर्तुगेजांचें राज चलोवंक सोदता...गोंयचें राज हिंदूवांच्याच हातांत आसोंक जाय, त्या खातीर तुमचीं मतां म्हाका दिवप तुमचें कर्तव्य” (4/144-145).

तोमाझिन्यु कार्दोजान राजकी फुडाऱ्यांची फटकिरी चाल नदरेक हाडल्या आनी ही चाल ह्या तियात्रांतल्या चारूय कुटुंबांतलीं तरणाटीं राजकी फुडाऱ्यांक विरोध करून निटायेर घालतात. राजकी फुडाऱ्यांनी जो धर्मीक धुस्पट केल्लो तो हीं तरणाटीं परतून बांदून हाडपांत येसस्वी जातात.

*‘कांटेच कांटे’* हो तियात्र 1980 वर्सा आदींचो संदर्भ घेवन येता जाल्यार *‘आमी सगळे एक’* हो तियात्र 1993 वर्सां आदींच्या काळाचें दर्शन घडयता. 1980 ते 1993 ह्या काळा मजगतींचो संदर्भ नियाळाक घेतलो जाल्यार ह्या 13 वर्सांच्या काळांत गोंयांत एक म्हत्वपूर्ण घडणी घडल्या ताची दखल घेवप गरजेची. ह्या काळांत राजभास आंदोलन (1985-1987) जालें. कार्तिक वेंकटेश हे विशीं *‘Konkani vs Marathi: Language battles in golden Goa’* ह्या माथाळ्या खाला लेख बरयतना नोंद करतात, “ह्या आंदोनलाक लागून गोंयकार दोन भागांनी वांटून गेले. गोंयकारां मदें

भाशेक लागून वादावादी जाली. 20 डिसेंबर 1986 ह्या दिसा कोंकणी भाशे खातीर पयलो वीर राजभास आंदोलनांत बळी जालो (Venkatesh).

ह्या आंदोलनाक लागून हिंदू आनी क्रिस्तांवां मदें आशिल्ल्या एकचाराक वेर येवपाक पावली. हाचेंच चित्रण लेखकान तियात्रांत केल्लें आसा तें जाणवता. ते भायर लेखकान ओपिनियन पोला (1967) संबंदीं जाल्ले परिस्थितीचो नियाळ विचारांत घेतिल्लो आसा तें लक्षांत येता. ह्याच कारणांक लागून लेखकान रापोजो (क्रिस्तांव) आनी चिमुलकार (हिंदू) ह्या राजकी फुडाऱ्यांच्या तोंडांतल्यान हे वयले संवाद व्यक्त केल्यात तें स्पश्ट जाता.

1980 वर्सा कार्दोज धर्मीक एकचाराचो बावटो उबयतना पळोवपाक मेळटा. हो एकचाराचो बावटो 1993 वर्साक पावता म्हणल्यार राजकी फुडारी आपल्या खासगी हिता खातीर शिरकटायतात तें दाखोवन दिता आनी तांचे कडल्यान सावध रावपाचो लेखक उलो मारता. शिरकटायिल्ले परिस्थितींत पासून लेखक एकचाराचें जैत दाखोवन दिवपाक फाटीं रावना.

### 6.2.3 धर्मवाद

*'अर्थ'* तियात्रांत क्रिस्तांव, हिंदू, आनी मुसलमान ह्या तिनूय धर्मांचीं पात्रां आसपावल्यांत. क्रिस्तांव आनी हिंदू हांचे मदें धर्मवाद जाता ते विशीं चित्रण आयलां. क्रिस्तांव आपल्या देवा खातीर इगर्ज बांदपाक सोदतात जाल्यार हिंदू विष्णू देवाचें देवूळ बांदपाक सोदतात. एकाच जाग्यार आपलें देवस्थान बांदपाक सोदतात. ह्या विशयाक लागून हो धर्मवाद जाता. ह्याच कारणाक लागून क्रिस्तांव आनी हिंदू हांचे मदें वादावादी जावंक पावता.

गोंय मुक्त जाले उपरांत ते 2000 वर्सा मेरेनच्या काळांत गोंयांत धर्मीक शांतताय आसली. गोंयांत शांतताय आसून पासून लेखकान हो धर्मवादाचो विशय कित्याक हाताळ्ळो?, असो प्रस्न येवं येता. 2000 वर्सा आदींच्या काळांत गोंयांत धर्मीक शांतताय आसली हाची लेखकाक जाणविकाय आसा पूण फुडाराक हे तरेच्या धर्मवादा विशीं शिटूक रावपाक लेखक उलो मारता. शांत गोंय, धर्मवादा कडसून पयस दवरचें असो तांचे बरपावळीचो हेतू आसा. 1992 वर्सा जाल्लो अयोध्येचो धर्मवाद गोंयकारांक बादिकार जावंचो न्हय असो तांचो हुसको आसलो. पूण 2006 वर्सा हो तांचो हुसको चिंता करपा सारको जाता. ह्या वर्सा सांवड्डें-कुडचडें वाठारांत मुसलमानांची जी बेकायदेशीर मशीद आसली ती हिंदू धर्मकोल्ली मोडून उडयतात हाका लागून  हिंदू-मुसलमान हांचो धर्मवाद जावंक पावता (Curchorem-Sanvordem riot). *'अर्थ'* तियात्रांतलो काल्पनीक देखावो फकत स वर्सांनी वास्तवीक रुपांत बदलता तें थावें जाता.

कार्दोज अब्दूलाचें (मुसलमान) पात्र एक मदेस्ती कसो उबो करतात आनी हो अब्दूल प्रस्न सुटावो करपाक म्हत्वपूर्ण सुचना दितना म्हणटा, "तूं आनी तूं, म्हणचें हिंदू आनी क्रिस्तांव, दोगूय एकठांय जायात. देवूळ आनी इगर्ज बांदचे सुवातेर गांवांत अशिक्षीत भुरग्यां खातीर एक शाळा बांदात, म्हज्या असल्या कुडड्यां खातीर आनी हजारांनी रस्त्यार जियेतल्या भिकाऱ्यां खातीर एक आश्रम बांदात" (2/137). ह्या तियात्रांतली ही एक म्हत्वपूर्ण सुचना धर्मवाद मेटोवपाक आनी तशेंच समाजकार्य करपाक एक उपाय सुचयता आनी अशे तरेन धर्मा परस उंचेले विचार व्यक्त करता. अयोध्येच्या धर्मवादा विशीं अशेच तरेचे विचार  कोरा हे वॅबसायटीचेर 2015 ह्या वर्सा: '*Why doesn't the government build something like a school or hospital on the Ram temple ground in Ayodhya?'* अशे तरेचो प्रस्न नोंद जाल्लो आसा.  लेखकान

असले तरेचो प्रस्न ‘अर्थ’ तियात्रांत 15 वर्सां आदीं मांडला (Why doesn't the government build?).

धर्मवाद जाता तेन्ना इगर्ज बांदपाचो मुद्दो येता. इगर्ज बांदपा खातीर रोल्दांव हें क्रिस्ती पात्र वावुरता. हांगा एक गजाल ध्यानांत घेवंची पडटा, खंयचीय इगर्ज बांदपाक बिस्प सायबाची मान्यताय आसची पडटा. बिस्प सायब इगर्ज बांदचे पयलीं पुराय चवकशी करता आनी उपरांत परवानगी दिता. ह्या संदर्भांत कार्दोजान चित्रीत केल्लें रोल्दांवाचें पात्र बिस्प सायबाची मान्यताय नासतना वागता तें विचित्र दिसता. ह्या पात्राची वागणूक वास्तवीक समाज जीवना कडल्यान  पयस उरता तें स्पश्ट जाता.

कार्दोज हांणी धर्मवादा विशीं काल्पनीक देखावे चित्रीत केल्यात. ह्या चित्रणा वरवीं ते धर्मवादा विशीं शिटूक रावपाचो उलो मारतात आनी अशे तरेन गोंयांत शांतीची स्थिती निरंतर उरची अशी अपेक्षा करतात. फकत स वर्सांनी ही अपेक्षा भंग जाता जेन्ना सांवड्डें-कुडचडें वाठारांत मुसलमानांची जी बेकायदेशीर मशीद आसली ती हिंदू धर्मकोल्ली मोडून उडयतात हाका लागून हिंदू-मुसलमान हांचो धर्मवाद जावंक पावता. जें फुडाराक घडचें आसलें ताची लेखकाक सुलूस लागिल्ली अशें दिसता.

### 6.2.4 आंतरधर्मीक विचार

*‘काळोख आनी उजवाड’* ह्या तियात्रांत नितिदार (हिंदू पात्र) आनी दोतोर (क्रिस्तांव पात्र) ह्या दोन राजकी उमेदवारांची खबर मेळटा. पत्रकार ह्या दोनूय उमेदवारांची मुलाखत घेतना तांचे धर्मा विशीं विचार कानार सादतात.  नितिदार हें पात्र म्हणटा, “जेदना आमी गोंयकार म्हणटांव तेदना आमच्यां दोळ्यां मुखार धर्म आसूंक फावोना, जाती आसूंक फावोना, हिंदू-क्रिस्ती लोका मदें घट एकवट हाडपाक पडटलो....inter religious marriages करप हें खूब फायद्याचें जातलें” (5/14). असलेच विचार

दोतोर व्यक्त करता, “गरज पडल्यार हांव परयांत एका हिंदू चेडवा लागीं काजार जावन दुसऱ्यांक वाट दाखोयतलों” (5/23). नितिदाराचो पूत आनी दोतोराची भयण एका मेकाच्या मोगांत आसतात आनी तीं लग्न जावपाक फुडें सरतात तेन्ना हे दोनूय उमेदवार तांच्या लग्नाक आडखळ हाडटात. *'हतयाचे खावंचे दांत वेगळे आनी दाखोवंचे दांत वेगळे'* अशे तरेची वागणूक नितिदार आनी दोतोर हांची जावंक पावता. ह्या तियात्रा वरवीं ढोंगीपणाची चाल लेखक उजवाडाक हाडटा.

वयले देखींत आंतरधर्मीक लग्नां विशीं मुद्दो आयिल्लो आसा. *'काळोख आनी उजवाड'* हो तियात्र 1977 वर्सा आदींच्या काळाचें दर्शन घडयता. ह्या काळार गोंयांत आंतरधर्मीक लग्नां जावपाक खूब कठीण आसलीं. असल्या लग्नांक मान्यताय दिवपाक घरचीं आडखळी उब्यो करतालीं. हेच विशीं कुमुदीन दास आनी हेर हांच्या, *'Dynamics of inter-religious and inter-caste marriages in India'* ह्या विशया वयल्या अभ्यासाची दखल घेवप खूब म्हत्वाचें. “भारतांत जीं लग्नां जातात तातूंतलीं 10% आंतरजातीय लग्नां आसतात जाल्यार फकत 2.1% आंतरधर्मीक जातात” (Das). तांचो अभ्यास ध्यानांत घेतलो जाल्यार आंतरधर्मीक लग्नां विशींची कठीण परिस्थिती लक्षांत येता. लेखकान चित्रीत केल्लीं पात्रां विजय (नितिदाराचो पूत) आनी मारिया (दोतोराची भयण) हीं पात्रां हे कठीण परिस्थितीचो उगडास करून दितात. शेवटाक हीं पात्रां लग्न जातात. लेखकान ह्या देखाव्या वरवीं आंतरधर्मीक लग्नाची संस्कृताय ऊंच उबारून मनीसधर्माची शिकवण प्रगट केल्या.

फुडें ह्याच तियात्रांत ('काळोख आनी उजवाड') दोतोर ह्या उमेदवाराची धर्मा विशीं येवजण कानार सादता. तो म्हणटा, “... दिवाळी, गणेश चतुर्थी, शिगमो हीं हिंदू लोकाचीं लौकीक फेस्तां, तेच परीं क्रिस्मस, न्यू इयर, इस्टर हीं आमचीं फेस्तां अशें

म्हणटात. हांव निवडून आयल्यार तीं हिंदूवांचीं आनी तीं क्रिस्तांवांचीं फेस्तां म्हणूंक दिवंचों ना, पूण गोंयकारांचीं फेस्तां...” (5/23).

वयलो उतारो गोंयांत आशिल्ल्या हिंदू आनी क्रिस्तांव हांच्या वेग-वेगळ्या फेस्तांचो उगडास करून दिता. दोतोरान हीं उतरां जरूय आपल्याक मतां मेळोवपा खातीर वापरल्यांत तरूय त्या उतरांनी गोंयची अस्मिताय लिपून आसा. 1977 वर्साचे मजगतीं हिंदू आनी क्रिस्तांव हांच्या फेस्तां-परबां वेळार एकामेकागेर वचप तितलें जाय नासलें जे तरेन आतां (2021) जाता. आतांच्या काळार हीं फेस्तां गोंयकारांचीं कशीं स्वरूप घेवपाक पावल्यांत. लेखकान जी येवजण दोतोराच्या पात्रा वरवीं 1977 वर्सा मांडिल्ली ती चालीक लागतना दिसता. हो तियात्र धर्मांची शीम हुपून गोंयकारपणाची मानसीकताय आपणावपाची शिकवण दिता म्हणल्यारूच धर्मा परस गोंयांत आशिल्लो मनीस खूब मोलाचो असो प्रचार करता. मनीसधर्माची भावना ह्या तियात्रांतल्यान व्यक्त जातात.

समाजांत कांय जाणांचीं उतरां  करण्यां पासून खूब पयस उरतात तें तोमाझिन्यु कार्दोज दाखोवन दितात आनी आंतरधर्मी नदरेन ढोंगीपणाची चाल आपणायतात तांचेर बडी मारतात. लेखक आंतरधर्मी लग्नाची मानसीकताय उबारून धरतना धर्मांचें बंधन पार करून असल्या लग्नांचें येस उबारून धरता. लेखकाक धर्मा परस गोंयकारपण अदीक मानवता म्हणल्यारूच गोंयांत आशिल्लो मनीस खूब मोलाचो दिसता देखून ते हिंदू आनी क्रिस्तांव हांचीं फेस्तां म्हणचे परस तांकां गोंयचीं फेस्तां म्हणप हें अदीक लागींचें कशें दिसता. हें ध्यानांत घेतलें जाल्यार  लेखक मनीसधर्माच्या  तत्वां-मुल्यांचो प्रचार करतना दिसता.

### 6.2.5 देवशास्त्रीय प्रस्न

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी कांय कडेन देवा विशीं वा देवाक प्रस्न विचारिल्ले आसात, तांची हांगा चिकित्सा करतां.

**प्रस्न 1.** *'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत फ्रॅन्को हो मोगी देवाक वायटा खातीर जबाबदार धरून आपले मोगिकेक विचारता, "रोझिता, केदनाय म्हज्या मनाक देवाचें खूब वायट दिसता. आयज ताणें दर्याचें पाणी बांयच्या पाण्या पोरीं केलोलें जाल्यार, कितलो लोक तानेन वळवळपाचो वाटोवंचो नासलो" (3/75).

लेखकान *'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत फ्रॅन्को ह्या पात्रा वरवीं एक देवशास्त्रीय प्रस्न विचारला, तें ह्या वयल्या संवादांतल्यान स्पश्ट जाता. हो प्रस्न 'देव मनशाक तानेन वळवळायता' असो आरोप करून तें पात्र देवाक गुन्यांवकार थारायता. खरेंच देवाक गुन्यांवकार थाराव येता व्हय?

कोरा हे वेबसायटीचेर '*Why did God make most of the water on Earth undrinkable?'* असो प्रस्न मेळटा. ह्या प्रस्नाची अनेक तरांनी जाप दिल्ली आसा. देवान उदक 'बांयच्या पाण्या पोरीं केलोलें' अशें वाक्य आयलां पूण साबार कारणांक (माती झरणी... आदी) लागून हें 'दर्याचें पाणी' प्रदुशीत जायत आयलां आनी जायत आसा, ह्याच कारणाक लागून मनशाचे तानेक तें उदक उपकरना अशें मत मांडटात. ही जाप ध्यानांत घेतली जाल्यार देवाक गुन्यांवकार थारांव येना हें स्पश्ट जाता (Why did God make?).

खरें म्हणल्यार फ्रॅन्कोन हो वयलो प्रस्न 1975 वर्साच्या अदमासाक विचारला. ह्या काळार जगांत पियेवपाच्या उदका संदर्भांत निकतोच प्रस्न सुरू जावपाक लागिल्लो, आतांच्या काळार हो एक गंभीर प्रस्न कसो दिसूं येता. हे संबंदीं बॅन्जामीन सोवाकूल

अशी भविश्यवाणी करता *"There will be no water by 2040 if we keep doing what we're doing today"* (Sovacool). ही भविश्यवाणी लक्षांत घेतली जाल्यार फ्रॅन्कोचो प्रस्न अदीक गंभीर आसा. बॅन्जामीन सोवाकूल जी भविश्यवाणी करता ती भविश्यवाणी लेखकान खूब आदीं फ्रॅन्कोच्या संवादांतल्यान केल्या ती लक्षांत येता.

**प्रस्न 2.** *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत रोजीन आपलो पूत अपघात जावन हॉस्पिटलांत आसता तेन्ना ती देवाचेर शीण काडून बाप्पाक म्हणटा, "बाप्पा, देवान म्हजेर हें कितें म्हूण धाडलें?" (4/121).

मायकल अपघात जावन गंभीर परिस्थितींत हॉस्पिटलांत आसता. अशा वेळार ताचे खातीर हिंदू आनी क्रिस्तांव देवाक मागणें करतात. आकांता वेळार देवाक प्रार्थना करून मायकल बरो जाता. देव आकांता वेळार पावता तेन्ना खूब बरें दिसता पूण होच देव आकांत कित्याक धाडटा? अशे तरेचो प्रस्न पवित्र पुस्तकांत जेजू आपल्या आकांताच्या वेळार देवाक विचारता: "देवा म्हज्या, देवा म्हज्या, कित्याक तुवें म्हाका सांडलोय?" (पवित्र पुस्तक मा.27.46). अशे तरेन जेजून देवाचेर शीण करून विलाप सुसकारला तें पवित्र पुस्तकांत वाचूंक मेळटा. "बाप्पा, देवान म्हजेर हें कितें म्हूण धाडलें?" रोजीनाचीं हीं शीण काडटलीं उतरां जेजून बापाक केल्ल्या शिणाक लागीं आसात.

**प्रस्न 3.** *'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांत फॅलिक्स अपघात जावन सोंपता तेन्ना ताची आवय देवाक गुन्यांवकार करून सुस्कारता, "पाद्र विगार, हें कितें म्हणन जालें? देवान अशें म्हजेच सवें कित्याक केलें?" (4/178).

पवित्र पुस्तकांत जोब ही व्यक्ती आपल्याचेर आयिल्ल्या प्रसंगा वेळार सुस्कारता, "जेदना एक निरपराधी मनीस अकस्मात मरता तेदना देव ताच्यो मस्कऱ्यो करता (Povitr Pustok: Job 9:23). जोबाचीं सगळीं भुरगीं मरून वेतात तेन्ना हीं उतरां तो

वापरता. पूण होच जोब देवाचेर भरवंसो दवरून अशेंय म्हणटना आयकूंक येता, “देवान दिलें देवान व्हेलें देवाचें नांव व्हड जावं” (Povitr Pustok: Job 1:21). फॅलिक्साची आवय “पाद्र विगार, हें कितें म्हणन जालें? देवान अशें म्हजेच सवें कित्याक केलें?” हीं उतरां म्हणटना ह्या जोबाचो उगडास जाता. ह्या जोबान देवाचेर शीण केल्लो दिसता पूण होच जोब देवाचेर भरवंसो दवरता तें दिसून येता. हे अशे तरेचो भरवंसो मात फॅलिक्साले आवयचे जिणेंत दिसना.

**प्रस्न 4.** *‘कांटेच कांटे’* ह्या तियात्रांत अब्दूल हें पात्र देवाचेर शीण काडून म्हणटा, “देव नितिदार म्हणटात, पूण म्हाका जाल्यार ही अस्सल फट दिसता” (2/8). अब्दूलाचो पूत आनी सून मरून वतात ह्या कारणाक लागून अब्दूल: देव खरेंच नितिदार काय? अशे तरेचो प्रस्न करता. खरें म्हणल्यार मुसलमानांक अल्ला म्हणल्यार नितिदार देव; हें तांच्या धर्माचें मुळावें सत. तांचो देव आपले प्रजे सवें सदांच नीत करता असो ह्या समाजाचो भावार्थ. अब्दूलाक जाल्यार ही अस्सल फट दिसता. अब्दूला सारकिले मनीस समाजांत जायते आसात जांकां अल्लाचें नितिदारपण मान्य जायना; ह्या असल्या मनशांचें अब्दूल प्रतिनिधित्व करता.

कार्दोज आपल्या साबार तियात्रांनी देवाक प्रस्न करतना दिसतात. हे तांचे प्रस्न समाजांत आशिल्ल्या प्रस्नांचो रूपकार जावन तांचे लिखणेंतल्यान उबे रावतात. हे तांचे प्रस्न केन्नाय देवाचेर शीण काडटात जाल्यार केन्नाय देवा वयलो भरवांसो उबोवन उडयतना दिसतात. कांय फावटीं हे तांचे प्रस्न करतले संवाद पवित्र पुस्तका वरवीं प्रेरीत जाल्यात तें थावें जाता.

### 6.2.6 मनीस मेले उपरांत

मनीस मेले उपरांत मनशाचें कितें जाता? तत्वगिन्यानी अशे तरेचो प्रस्न करतात. ह्या प्रस्नाक जाप दितना तत्वगिन्यानी कमी पडटात. देवशास्त्री मात हो प्रस्न धर्मीक नदरेंतल्यान नियाळटात. वेग वेगळे धर्म ह्या प्रस्नाक वेग वेगळे तरांनी जाप दितात. तोमाझिन्यु कार्दोजान *'अर्थ'* तियात्रांत मनीस मेले उपरांत मनशाची मनसुबी जाता ते विशीं खबर केल्ली आसा. हांगा सकयल ह्या मुद्द्याचेर उजवाड घालतां.

तिसऱ्या पडद्यांत भुंयकांप जावन रोजा, सेराफीन, अब्दूल, दामू, राजू, पास्कू, रोल्दांव, गोंदोळकार हीं पात्रां मरून वतात तें लेखकान चित्रीत केलां. मनशाचेर मरण केन्नाय आनी कशेंय येवं येता. मरण सांगून येना. पूण लेखकान कांदोळे भुंयकांप जावन पात्रां मरतात अशें नोंद केलां तें विचित्र दिसता. कारण भुंयकांप जाली जाल्यार फकत कांदोळे वाठारांतूच कसो जावं येता? समजुया कांदोळे वाठारांत भुंयकांप जालो जाल्यार देखाव्यांत आसपाविल्लींच पात्रां कशीं मरू येतात? ह्या भुंयकांपाचो परिणाम त्या संपूर्ण वाठाराचेर जावपाक नाका आसलो? हो भुंयकांप फकत चित्रीत पात्रांक लागून लेखकान चित्रण केला अशें दिसता. हाका लागून हें मरणाचें चित्रण वास्तवीक स्वरुपाचें न्हय पूण काल्पनीक स्वरुपाचें म्हणपाचें स्पश्ट जाता.

हाचे उपरांत चवथ्या पडद्यांत मनीस मेले उपरांत मनशाची मनसुबी जाता. लेखकान ही चित्रीत केल्ली मनसुबी हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्तांव धर्मांनी कशी-कितें आसा?

हिंदू धर्मांत मनीस मेले उपरांत मर्णाचो देव यम मनशाच्या कर्मा प्रमाणें मनसुबी करता. मनशाचो पुनर्जल्म जाता तेन्ना ताच्या बऱ्या वा वायट करण्यां वरवीं ताका इनाम फावो जातलें. मनशाचे करणे प्रमाणे ताची नीत जाता. तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्ल्या

देखाव्यांत देव आसा पूण तो यम अशें खंयच मेळना. तशेंच ह्या चित्रीत देखाव्यांत पुनर्जल्माचीय खबर मेळना ताका लागून ही मनसुबी हिंदू धर्माचे संकल्पनेंत बसना.

इस्लाम धर्मांत मनीस मेले उपरांत ताची मनसुबी जाता. मुनकार आनी नकीर हे दोन भोडवे मेल्ल्या मनशाच्या भावार्थाची तपासणी करतात. कोण एकलो समजुया भावार्था खातीर हुतात्मो जाला जाल्यार ताका रोखडोच सर्ग फावो जाता. बरें करतल्याक सर्ग फावता आनी वायट करतल्याक नरक फावता. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या चित्रीत देखाव्यांत मुनकार आनी नकीर ह्या दोन भोडव्यांची खबर मेळना. तांचे बदलेक चावीकार आनी शिंगाकार हीं दोन पात्रां मेळटात. हांगा भावार्था खातीर हुतात्मो जाला जाल्यार ताका रोखडोच सर्ग फावो जाता हाचो उल्लेखूय मेळना. हाका लागून ही मनसुबी इस्लाम धर्माचे संकल्पनेंत बसना.

क्रिस्तांव धर्मांत मनीस मेले उपरांत ताची तपासणी जाता. मनाशाचे करणे प्रमाणें ताका सर्ग, नरक वा पुरगातोर फावो जाता. सर्गांत भितर सरपाक सर्गींच्या दाराची चावी सांत पेद्रू कडेन आसता आनी देंवचार नरकाचो धनी आसता. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या चित्रीत देखाव्यांत चावीकार आनी शिंगाकार मेळटात. चावीकार हो पेद्रूचो रूपकार जाल्यार शिंगाकार हो देंवचाराचो रूपकार खुणायता, हाका लागून हो चित्रीत देखावो क्रिस्तांव धर्माक लागींचो आसा. सव्या पडद्यांत देव निवाडो दिता तें आयकूंक  मेळटा. सेराफीन, अब्दूल आनी राजू हीं पात्रां सर्गार वतात आनी रोजा, दामू, पास्कू, रोल्दांव, गोंदोळकार  हीं पात्रां नरकांत पावतात. लेखकान फकत सर्ग आनी नरक हांचेर उजवाड घाला आनी पुरगातोर ही संकल्पना काळखांत दवरल्या.

पांचव्या पडद्यांत देव मनसुबी सुरू करता. तांकां सगळ्यांक तांच्या बऱ्या-वायट करण्यांचें पत्रक दिता. ह्या पत्रकाचेर तांच्यो बऱ्यो-वायट करण्यो जशाक तश्यो नोंद

केल्ल्यो आसात तें वाचून तीं सगळीं अजापीत जातात. देव सेराफीनाकूय (एक नुस्तेकान्न) पत्रक दिता. हांगा साबार प्रस्न उबे जातात. तिका वाचूंक येता? वाचूंक येना जाल्यार कशें-कितें? तें पत्रक खंयचे भाशेंत बरयिल्लें आसा? ह्या प्रस्नांची जाप ह्या तियात्रांत मेळना.

देव राजूक (पत्रकार) पत्रक दिता तेन्ना राजू देवाक विचारता? "सायबा, हांव तुका विचारतां, तुंवें म्हाका इतल्या भुरग्यापणार संवसारांतलो कित्याक हाडलो?" (2/149). ह्या प्रस्नाक जाप दितना देव आपली चूक जाली म्हूण सांगता "… तूं आनी रेजी...दोगांयचीं रुपां एकूच आसलोल्या कारणान ताचेर धाडलोलें मरण चुकीन तुजेर आयलें..." (2/149). खरें म्हणल्यार देव कसोच चुकूंक शकना आनी चुकलो जाल्यार तो देव आसूंक शकना कारण देव हो चुकी विणें आसता, तेन्नाच ताका देव म्हणूं येता. हो तियात्र देव चुकता तें दाखोवन दिता तेन्ना *'हो खरोच देव काय?"* असो प्रस्न पडूं येता.

मनीस मेले उपरांत मनशाची मनसुबी जाता ते विशीं जे तोमाझिन्यु कार्दोजान विचार मांडल्यात ते हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्ती धर्मांक लागींचे आसात तें दिसता पूण हे विचार क्रिस्ती धर्माचे म्हणपाचें थावें जाता.

## 6.3 क्रिस्तांव धर्माचें चित्रण

तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी हेर धर्मां परस क्रिस्ती धर्माचें चित्रण व्हड प्रमाणांत केलां.

संवसारांत लागीं-लागीं 4,200 धर्म आसात तातूंत क्रिस्तांव धर्म आंकड्यांच्या संदर्भांत पयले सुवातेर उरता. क्रिस्तांव धर्म केंद्रस्थानार दवरपाक हें एक कारण लेखकाच्या

मनांत आसूं येता पूण लेखक आपल्या तियात्रांत संवसारांतल्या धर्मांची खबर करिना पूण गोंयांतल्या क्रिस्तांव धर्माची करता.

गोंयांत पुर्तुगेज राज्य चलयताले तेन्ना क्रिस्तांव धर्म आंकड्यांच्या संदर्भांत पयले सुवातेर आशिल्लो अशें आसलें जाल्यारूय लेखक आपल्या तियात्रांत पुर्तुगेज काळ घेवन येना; कांय कडेन पुर्तुगेज काळाचो उल्लेख मात येता. अशें जाल्यार क्रिस्तांव धर्म केंद्रस्थानार दवरपाचें कारण कितें आसूं येता?

तोमाझिन्यु कार्दोजान गोंय सुटके उपरांत 1964 वर्सा तियात्र बरोवपाक सुरू केलें आनी तांचे चडशे तियात्र त्या त्या काळाचेंच दर्शन घडयतात. ह्या काळा मजगतीं क्रिस्तांव धर्म आंकड्यांच्या संदर्भांत देंवती दाखयता. 2001 वर्सा 26.68% जाल्यार 2011 वर्सा 25.10% जावपाक पावता (Christianity in Goa). अशें आसून पासून क्रिस्तांव धर्म केंद्रस्थानार कित्याक? लेखक क्रिस्तांव धर्माचो घटक जाल्ल्यान तांकां क्रिस्तांव धर्म लागींचो कसो दिसता. इतलेंच न्हय तांचें पुराय भुरगेपण तशेंच तरणाटेपण तांणी इगर्जेच्या वावराक खर्चिलां. ह्या संदर्भांत लेखक सांगता:

हांव भुरगो आसलों तेन्ना आंज न्हेसतालों, मिसाक वेतालों, आल्तारार वेदी सेवा करतालों, दोतोनीक वेतालों... व्हड जावन पासून चालूच दवरलें, संगीत पंगड चलयतालों, फाब्रिकाचो वांगडी आसलों, एक शिक्षक कसो इगर्जेच्या शाळांनी वावर करतना पाद्रीं बरोबर मिसळ जालों... 1995 वर्सा वेंचणूक जिखून सभापती जालों तेन्ना साकून इगर्जेच्या वावरांत मिसळ जावप कमी जालें" (कार्दोज, खाजगी मुलाखत 20 मार्च, 2018).

असल्या क्रिस्ती धर्माच्या अणभवाक लागून तांच्या तियात्रांनी क्रिस्तांव धर्म आनी धर्मीक शिकवण प्रमुखपणान दिसता.

तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी क्रिस्ती धर्माची रुपरेशा कशे तरेन दाखयल्या ते विशीं हांगा सकयल उजवाड घाला. हो उजवाड घालतना खास करून: संस्कार, मिसा बलिदान, पाद्रीचीं रुपां, क्रिस्ती देवासांवां आनी दयाळ करण्यांचें पालन हे घटक अभ्यासल्यात.

### 6.3.1 संस्कार वा साक्रामेंत

क्रिस्ती धर्मांत सात संस्कार वा साक्रामेंतांचो आसपाव आसा. पवित्र स्नान वा बावतिज्म, थिरावणे संस्कार वा क्रिज्म, क्रिस्त प्रसाद वा कुमुन्यांव, प्रायश्र्चीत संस्कार वा कुमसार, पिडेस्तांची माखणी वा संतेसांव, देव-मुणयाऱ्यांची संस्कारणी आनी लग्न संस्कार वा काजार; हे सात संस्कार दर एका क्रिस्ती भावार्थ्याक देव कृपेची झर. हे सात संस्कार लेखकान कशे तरेन चित्रीत केल्यात ताची चिकित्सा करतां.

#### 6.3.1.1 पवित्र स्नान वा बावतिज्म

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या *'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत कारमीन आनी फोर्सू हीं आपलीं नांवां मॉडर्न स्टायलीचीं करतना दिसतात. कारमीन आसा तें मिना जाता आनी फोर्सू आसा तें फ्रॅन्की करता. अशा वेळार आकाज तांकां प्रस्न करता, "ना रे बाबा, हांव चिंतालों की तुमकां हो दुसरो बावतिज्म कोणें दिलो काय म्हूणन. पाद्रीन वो साकिस्तांवान? (4/51). अशे तरेचो पवित्र स्नान वा बावतिज्मा विशीं शेरो मेळटा.

"आख्ख्या संवसाराक वचात म्हजी बरी खबर प्रगट करात आनी तांकां पवित्र स्नान दियात आनी तांकां म्हजे शीस करात" अशें मातेवाच्या शुभवर्तमानांत वाचूंक मेळटा (पवित्र पुस्तक मा. 28:19). ही जेजूची आज्ञा मनांत बाळगून पवित्र सभा हें मुळावें काम करता. पवित्र स्नान वा बावतिज्म हो एक प्रवेसी संस्कार. ह्या संस्कारा वरवीं मनीस क्रिस्ती धर्माचो पाटलावदार जाता. पवित्र स्नान समारंभतात तेन्ना पवित्र स्नान

घेतल्याचेर पवित्र उदक रकयतात आनी स्नान घेतल्याचें मूळ पातक धुवन काडटात. हें खुणावंक स्नान घेतल्याक धवें न्हेसण घालतात. एके फावट पवित्र स्नान वा बावतिज्म घेतलो म्हणटोच तो सर्वकाळी क्रिस्तांव जावंक पावता. ह्याच संस्कारा वरवीं पवित्र स्नान घेतल्याक नांव घालप जाता. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या *'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत वयर नोंद केल्लो संदर्भ जरूय उपहासात्मक रुपान वापरला तरूय हो संदर्भ वयर स्पश्ट केल्ले पवित्र स्नानाचे वा बावतिज्माचे शिकवणेचो नाकळटां उगडास करून दिता.

### 6.3.1.2 पयलो कुमुन्यांव

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत पाद्री विगार पात्रीसाक कुमसारा विशीं प्रस्न करता तेन्ना तो जाप दिता, "पयलो कुमुन्यांव घेतलोलो पोय त्या आदल्या दिसा..." (3/106-107). अशे तरेन क्रिस्त प्रसाद वा कुमुन्यांव हे विशीं उल्लेख मेळटा.

जुआंवाच्या शुभवर्तमानांत जेजू म्हणटा, "जीं कोण म्हजें मास खातात आनी रगत पियेतात तांकां सासणाचें जिवीत फावो जातलें" (पवित्र पुस्तक मा. 6:56). हीं उतरां मतींत धरून पवित्र सभा जांकां 7 ते 8 वर्सांची पिराय भरता त्या क्रिस्ती भावार्थ्यांक क्रिस्त प्रसाद वा कुमुन्यांव दिता. हो संस्कार दिवपा खातीर तांची एक-दोन वर्सां आदीं तयारी चलता. तयारेच्या काळांत भुरग्यांनी मुळावी दोतोन शिकची आसता. जीं कोण मुळावी दोतोन आनी हेर शिकवण तोंडपाठ करतात तांकां हो संस्कार दिवपाक वेंचून काडटात. ह्या संस्कारा वरवीं तीं पयलेच पावट उंड्या रुपान जिव्या जेजूक आपल्या काळजांत घेवपाक पावतात. हो संस्कार आपणावचे पयलीं तांणी प्रायश्चीत संस्कार वा कुमसार घेवपाची सक्ती आसता. ही शिकवण तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या *'दिता तशें घेता'*

ह्या तियात्रांत पाद्री विगार आनी पात्रीस ह्या पात्रांच्या संवादा वरवीं प्रेक्षकांच्या मनांचेर प्रभाव घालता.

### 6.3.1.3 प्रायश्चीत संस्कार वा कुमसार

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत पाद्री विगार पात्रीस ह्या पात्राक प्रस्न करता, " ... तूं कुमसार केन्ना जालोलो रे? आरे तूं कुमसार केन्ना जालोलो काय म्हूण विंचारतां" (3/106).

"जेजून आपल्या शिसांक आदेश दिलो: जांचीं तुमी पातकां भोगशितल्यात तांचीं पातकां तांकां भोगसतलीं" (पवित्र पुस्तक जु. 20:23). ह्याच जुआंवाच्या शुभवर्तमानांत आसपाविल्ल्या जेजूच्या आदेशाचेर आदारून पवित्र सभेंत प्रायश्चीत संस्कार वा कुमसार जल्माक आयलो. क्रिस्त प्रसाद वा कुमुन्यांव घेवंचे पयलीं हो संस्कार क्रिस्ती भावार्थ्यांक सक्तीचो आसता. ह्या संस्कारांत क्रिस्ती भावार्थीं आपलीं पातकां पाद्रीक सांगतात आनी पाद्री तांचीं पातकां भोगशिता. वर्साक एक पावट तरी कुमसार जावचें असो पवित्र सभेचो नेम आसा. पात्रीस हें पात्र कितलींच वर्सां जालीं कुमसार जायनासतना जियेता. तोमाझिन्यु कार्दोजान *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत पाद्री विगार आनी पात्रीस हांच्या संवादा वरवीं समाजांत जे कुमसारा विणें जियेतात तांचेर बडी मारपाचो प्रयत्न केला.

### 6.3.1.4 पिडेस्तांची माखणी वा संतेसांव

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत पाद्री विगाराक पास्कू आपल्या पुताच्या काजारा दिसा हॉलांत कित्याक येवंक ना असो प्रस्न करता तेन्ना पाद्री विगार जाप दिता, "आरे कितें सांगूं, काजाराच्या हॉलांत वोचोन एलॅक्साक परबीं दितोलों म्हूण

न्हेसोन भायर सरतालों मात, संतेसांव आयलें, मागीर कितें करतोलों? पयलें ओब्रिगासांव न्हय? संतेसांव घेवन वयचोच पडलो" (3/106).

"तुमचे मदें कोणूय पिडेंत आसा जाल्यार यादनिकाक आपोवंचो आनी जेजूच्या नांवान तेल लावन पिडेस्ताचेर हात दवरून मागणें करचें" अशी शिकवण पवित्र पुस्तकांत वाचूंक मेळटा (पवित्र पुस्तक जाक. 5: 14-15). हीच शिकवण मनांत बाळगून पिडेस्तांची माखणी वा संतेसांव हो संस्कार अस्तिवांत आयलो. कोणूय क्रिस्ती भावार्थी गंभीर पिडेंत आसता वा मरणाचो वेळ लागीं पावला अशें दिसता तेन्ना ताका हो संस्कार दितात. पिडेस्ताक हो संस्कार दितना पवित्र तेलान माखतात जे वरवीं पिडेस्ताक कुडीची तशीच आत्म्याची घटाय मागून घेतात. हो संस्कार दिवंक पाद्रीन खंयच्याय वेळार हाजीर जावंचें पडटा. तोमाझिन्यु कार्दोजान अशे तरेन पिडेस्तांची माखणी वा संतेसांव ह्या संस्काराचें म्हत्व दाखोवन दिलां.

#### 6.3.1.5 लग्न संस्कार वा काजार

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या कांय तियात्रांनी काजाराचे उल्लेख केल्ले पळोवंक मेळटात. देखीक, *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत दोन काजारां जाल्ल्याचो उल्लेख आयला. पयल्या पडद्यांत एलॅक्स आनी फॅल्सी हांच्या काजाराची खबर केल्ली आसा. तशेंच फुडें क्लिफर्ड आनी रोझिता हांच्या काजारा विशीं विस्तारान उलोवप जाल्लें आसा. *'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत रेस्पेराचें न्हेसण घालून हॉस्पिटलांत दिसतात ताचो उल्लेख आयला (4/47). *'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* ह्या तियात्रांत ज्योकीं आनी लुसिया हांचें काजार जाल्ल्याची खबर मेळटा (2/95). तशेंच *'हॅलो आंकल'* ह्या तियात्रांत पाद्री (नकली) रोनी आनी फ्लो हांचें घरांत काजार करता ताचें चित्रण आयलां (1/188).

देवान संवसार रचलो तेन्ना आदांवाक आनी एवेक रचणेचो मुकूट कशीं आकारलीं. देवान तांचेर आशिर्वाद घालून म्हणलें, “चडात आनी वाडात आनी प्रिथुमेचें रूप भरात” (Povitr Pustok Ut. 1:28). देवाची ही आज्ञा काजाराचो संस्कार खुणायता. पवित्र पुस्तकांत व्हंकले आनी न्हवऱ्या विशीं म्हणिल्लें  आसा, “तीं आतां दोगां न्हय पूण एकूच जातलीं” (पवित्र पुस्तक मा. 19:6). लग्न संस्कार वा काजार म्हणल्यार संस्कारां मदलो सातवो संस्कार. ह्या संस्कारा वरवीं व्हंकल आनी न्हवरो इगर्जेच्या आल्तारा मुखार येवन सुखांत तशींच दुखांत एकामेकाक विस्वाशी रावतलीं असो पवित्र सभे हुजीर सोपूत घेतात. तशेंच काजारा संबंदींचे सगळे कायदे पाळूंक भास दितात. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी समाजांत जीं काजारां जातात तांची खबर वास्तवीक रुपान आयिल्ली आसा.

तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी संस्कारांचे समारंभ दाखयले नात तरी ‘पवित्र स्नान वा बावतिज्म’ ‘पयलो कुमुन्यांव’, ‘कुमसार’, ‘संतेसांव’ आनी ‘काजार’  ह्या पांच संस्कारांचो उल्लेख केल्लो मेळटा. थिरावणे संस्कार वा क्रिज्म आनी देव-मुणयाऱ्यांची संस्कारणी वा ऑर्द ह्या दोन संस्कारांचो खंयच उल्लेख केल्लो मेळना.

### 6.3.2 मिसा बलिदाना विशींची मानसीकताय

“घेयात आनी खायात ही म्हजी कूड... घेयात आनी पियेयात हें म्हजें रगत... हें म्हज्या उगडासाक करात.” (पवित्र पुस्तक लु. 22:19) हीं स्वामी जेजूचीं उतरां पवित्र पुस्तकांत वाचूंक मेळटात. जेजून आपलेंच बलिदान कालवारी दोंगरार खुरसाच्या पलंगार केलें. दर एके पावट मिसाचें बलिदान भेटोवप म्हणल्यार ह्याच बलिदानाचो उगडास करप. दर एका मिसा बलिदानांत सादो उंडो आनी सादो दाखां सोरो जेजूच्या मासा-रगतान बदलता. हें जावन आसा क्रिस्ती भावार्थाचें एक मुळावें सत. आयताराच्या आनी हेर

नेमिल्ल्या दिसांनी मिसाक वचपाक जाय असो  पवित्र सभेचो नेम आसा. तोमाझिन्यु कार्दोजाच्या तियात्रांनी एकेय कडेन मिसा बलिदानाचो देखावो आयिल्लो दिसना पूण साबार कडेन मिसा बलिदानाचो उल्लेख आयिल्लो आसा. मिसा बलिदानाचो विशय घेवन येतना क्रिस्ती भावार्थाचें मुळावें सत प्रेक्षकां मेरेन व्हरपाचो प्रयत्न करतना आपले आगळे-वेगळे विचार ते मांडटात ते अशे:

*'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत पेरपेतीन हें पात्र आसा. ह्या पात्रा संबंदीं कोंकणी मिसाचो विशय आयिल्लो आसा.  हो कोंकणी मिसाचो विशय नियाळाक घेतलो जाल्यार दुसरी वातिकान विश्व सभा हिचो उल्लेख मुजरत करचो पडटा. ही विश्व सभा 1962 वर्सा सुरू जाली ती 1965 वर्सा सोंपली. हे विश्व सभेन खूब बदलपां घडोवन हाडलीं, तातूंतलें एक बदलप म्हणल्यार मिसाचें बलिदान थळावे भाशेंत करपाक मान्यताय दिली. आदीं गोंयांत लातींन भाशेंत मिसाचें बलिदान जातालें तें दुसरे वातिकान विश्व सभेक लागून कोंकणी भाशेंत जावपाक पावलें. 1965 वर्सा उपरांत गोंयांत हें घडलें. हें कोंकणी भाशेचें एक जैतूच. ह्या काळा उपरांत साकून लातींन भाशेंतलीं मिसां बंद जावन कोंकणी मिसां जातात ताचो लेखक उगडास करून दिता.

*'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* हो तियात्र खंयचो काळ दाखयता, ह्या प्रस्नाक जाप लेखकूच ह्या तियात्रा विशीं बरयतना दिता: "2000 वर्साच्या दसकांत गोंयांत इंग्लेज भाशेक, युरोपी संस्कृतायेक आनी अनगोंयकारांक लागून जी परिस्थिती निर्माण जाली ती परिस्थिती *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत बेस बरी दाखोयलोली आसा" (4/4). कोंकणी मिसां सुरू जातकूच 35 वर्सां उपरांतचो काळ लेखकान ह्या तियात्रांत दाखयला. ह्या काळा भितर पवित्र सभेन काळाची गरज वळखून इंग्लीश मिसां सुरू केल्लीं. काळाची गरज म्हणल्यार ह्या काळा मजगतीं गोंयांत खूब प्रमाणांत बिगर गोंयकारांचें स्थलांतर जालें. ह्या बिगर गोंयकारांक कोंकणी भाशेची वळख नाशिल्ल्यान

इंग्लीश मिसांची गरज उप्रासली. खरेपणीं, ह्या लोकां खातीर हीं इंग्लीश मिसां सुरू जाल्लीं पूण उपरांत इंग्लीश जाणा आशिल्ले आनी प्रतिश्ठीत गोंयकार इंग्लीश मिसाक वचपाक लागले. हाचे फुडें आपल्याक प्रतिश्ठा आसा म्हूण दाखोवपा खातीर इंग्लीश समजना तीं पासून इंग्लीश मिसाक वचपाक लागलीं. लेखकान पेरपेतीन ह्या पात्रा वरवीं आपल्याक फकत प्रतिश्ठा मेळोवन घेवपाक सोदतलें पात्र उबें केलां. ह्या पेरपेतीनाक इंग्लीश भाशा सारकी समजना तरी पूण तें कोंकणी मीस सोडून इंग्लीश मिसाक वेता असो विशय आयिल्लो आसा. इंग्लीश भाशेंत जावपी मिसाक वचपा फाटलो तिचो उद्देश ह्या उतरांनी समजुपाक मेळटा: "आरे इंग्लेज मिसाक फकत व्हडले व्हडलेच लोक आसता न्हय? व्हडले दोतोर, आदवोगाद, आनी दुसरे शिकलोले पोय ते लोक. हांवूय तर त्याच इंग्लेज मिसाक गेलीं जाल्यार लोकाक तशेंच दिसतलें मुरे की हांव आनी आमची फामील तसल्याच व्हडल्या घरांण्यांतली म्हूण" (4/18). समाजांत कांय मनीस अशे आसतात, तांकां फकत व्हडपण, मान आनी प्रतिश्ठा जाय, हें मेळोवपाक ते आपलें निजाचें आनी खाशाचें आसा तें सोडून आपली पोकी बडाय दाखोवंक फुडें सरतात. तोमाझिन्यु कार्दोजान असल्याच समाजाचें चित्र पेरपेतीनाच्या पात्रा वरवीं पिंतारलां.

*'अर्थ'* ह्या तियात्रांत रोजा नांवाची अस्तुरी आयल्या. ती दिसाक दोन मिसांनी वांटो घेवन कुमुन्यांव घेवपी. ती मेले उपरांत तिची देवा मुखार मनसुबी जातना देव तिका सांगता, "रोजा, संवसारांत तुवें केलां तें रोजार न्हय, तीं प्रार्थना न्हय, पूण तें एक सवंग आसलें. तुज्या घरांत तुजो घोव, आरीचे पिडेंत वळवळटालो. तुज्या घोवाची माये मोगान सेवा केल्ली जाल्यार, तीच की खरी देवभक्ती जातली आसली…" (2/154). कांय जाणां नेमान मिसाक वेतात तांचें रोजा प्रतिनिधित्व करता. मिसाक खंयच्या मनान वेता तेंय खूब म्हत्वाचें. आपली भक्ती वाडोवपाक वा दुसऱ्यांनी आपल्याक पळोवंचे

खातीर वचप? रोजाचें पावल बरें आसलें पूण आपली भक्ती वाडोवपा खातीर न्हय तर दुसऱ्यांनी आपल्याक पळोवंचे खातीर दिसाक दोन-दोन मिसांनी पासून वांटो घेतात, पूण खरी देवभक्ती करपाक हातभर पयस उरतात तांचें चित्रण तोमाझिन्यु कार्दोज करतना समाजांत धर्मीक मळार जें ढोंग चलता ताचेर उजवाड घालता. "हां. आतां हांव मिसाचो येताना म्हाका कोण तरी विचारतालो फॅल्सी मिसाक येवंक ना काय म्हूण" (3/114). *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत पास्कू मिसाक वेता तें अशे तरेन स्पश्ट जाता. पास्कू मिसाक वचपी आनी ताचें जिवीत जाणून घेतलें जाल्यार मिसाक जी शिकवण दितात ताचे प्रमाणें आपलें जिवीत जगपी. हांगा फॅल्सीचोय मिसाक वचपाचो उल्लेख मेळटा पूण ताचें जिवीत मिसांत शिकवण मेळटा ताचे परस उरफाटें आसता. मिसाक वचप ही एक भावार्थपूर्ण गजाल. समाजांत अशीं दोन तरांचीं मनशां आसतात तांचें चित्र लेखकान वास्तवीक रुपान पिंतारलां.

आयताराक आनी हेर नेमिल्ल्या दिसांनी मिसाक वचपा संबंदान पवित्र सभेच्या नेमाचें लेखकाक भान आसा; तरी पूण तांकां ह्या नेमा परस मुळावी जबाबदारी खूब म्हत्वाची दिसता. फकत लोकांक दाखोवंचे खातीर सदांच मिसाक वचप हाका अर्थ ना आनी मिसा बलिदानाचो खरो अर्थ सोदून खरी भक्ती देवाक उबारपाक हेंच खरें मागणें म्हणून लेखक सांगता. कोंकणी मनशान इंग्लीश मिसाक वचून आपल्याक खोटी प्रतिश्ठा मेळोवंचे परस कोंकणी मिसा बलिदानांत भाग घेवप अदीक म्हत्वाचें म्हणपाचें दाखोवन दिता.

### 6.3.3 पाद्रीचीं रुपां

*'अंतस्कर्ण आनी कायदो', 'कांटेच कांटे', 'दिता तशें घेता'* आनी *'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांनी पाद्रीचें पात्र आयलां. ह्या तियात्रांनी तोमाझिन्यु कार्दोजान पाद्रीक ज्या ज्या रुपांनी चित्रीत केला तांची फोडणिशी अशी:

#### 6.3.3.1 अंतस्कर्णाची वाट दाखोवपी

*'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* ह्या तियात्रांत ज्योकीं हें पात्र आसा. ज्योकीं आनी ताची आवय आपलें घर सारकें ना देखून भाटकाराच्या घरांत रावतात. जेन्ना मुंडकार कायदो सरकाराची मान्यताय मेळून अस्तिवांत येता तेन्ना ज्योकीं ह्या कायद्या प्रमाण भाटकाराचें घर आपलें करूंक सोदता. खरें म्हणल्यार भाटकाराचें घर आपलें करूंक कायदो ताका परवानगी दिना तरी पूण तो तें आपलें करूंक फुडें सरता. अशा वेळार गांवचो पाद्री विगार म्हणटा, "तुजेंच जालें? हें घर तुजेंच जालें? नांव सिन्योर, नांव ए आसीं. आरे ज्योकीं, मुंडकार कायद्या परमोणें हें घर तुजें जालें म्हणटा तें बरें आसा रे. पूण अंतस्कर्णाचो कायदो तुका कितें सांगता रे? … त्या सरकाराच्या कायद्याक लागून तुज्या अंतस्कर्णाचेर शेण ओडिनाका... देवा बापाची नीत आसा म्हूण विसरनाका" (2/80).

मनीस कसलीय एक करणी करपाक सोदता तेन्ना ताचे भितर ताका एक आवाज कितें तरी सांगता. तुंवें हें केल्यार चुकीचें जातलें, तुंवें तें केल्यार बरें आनी सारकें जातलें: अशे तरेन दोन आवाज तुजे भितर आयकुपाक येतात. खास करून कोण एकलो चुकीचें कर्तूब करपाक वता तेन्ना ताका बऱ्या आनी खऱ्या विशीं आवाज आयकूंक येता. मनीस आपल्या अंतस्कर्णाचो आवाज आयकून बरें-खरें कर्तूब आदारपाक पावता पूण कांय फावटीं आपल्या अंतस्कर्णाचो आवाज आयकून आपल्याक जाय तेंच करपी

आसतात. कांय फावटीं बरे मनीस अंतस्कर्णाचो आवाज दुसऱ्यांच्या कानार सादयतात. वयर उल्लेख केल्ले देखींत पाद्री हो अंतस्कर्णची वाट दाखोवपी म्हणपाचें स्पश्ट जाता.

### 6.3.3.2 राजकारणांत वांटो घेवपी

*'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत पाद्री विगाराचें पात्र आसा. विनोद हो शिक्षक आनी समाज सेवक पाद्री विगाराच्या वाठारांत प्रजेची सेवा करता. पाद्री विगार विनोदाची सेवा पळोवन ताका वेंचणुकेंत उमेदवारी मेळोवंक जायती खटपट करता. ही खटपट करता आसतना पक्ष अध्यक्ष पाद्री विगाराक म्हणटा, "पाद्र विगार, तुमचें काम धर्म परगटपाचें, तुमचो वावर जेजू क्रिस्ताची शिकवण शिंपडावपाचो. तुमचें कर्तव्य निरादारांक आदार दिवपाचें. तुमकां इतलीं म्हत्वाचीं कामां आसताना, तीं थंयच सोडून राजकारणांत मिसळ जावपाक कोणें सांगलां?" (2/35).

पाद्री हो देवकार्या खातीर आसता. प्रजेक देवाचें ज्ञान दिवप हो ताचो मुखेल हेत. प्रजा देवाची भक्ती करूंक पावूं आनी देवाक लागीं येवं हो ताचो उद्देश. प्रजा सदांकाळ सुखेस्त आसची, तिचो पावला पावलाक उखल जावंचो, खिणा-खिणाक तिचें कल्याण जावंचें  अशी मानसीकताय घेवन जियेवपी हो मनीस. सगळया वेळार ताका प्रजेचें बरेपण जाय. ह्या असल्या हावेसान जगतना ताका राजकारणांत पासून मिसळ जावंचें पडलें जाल्यार पासून तो फाटीं रावना. गोंयांत कांय पाद्री आसात जे सहजपणीं राजकारणांत मिसळ जातात; तांचेंच पडबिंब ह्या तियात्रांत उजवाडाक आयलां.

### 6.3.3.3 बुजवण दिवपी

*'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांत पयल्याच पडद्यांत फॅलिक्स अपघात जावन सोंपला, ताचें चित्रण आयलां. हांगा पाद्री हें पात्र फॅलिक्साल्या घरच्यांक बुजवण दिता. हो पाद्री

फॅलिक्साचे घरकान्नीक म्हणटा, “मारिया धीर घे... घटाय घे... हांव समजतां तुजें दूख... देव तुका सदांच आपलो आधार दितलो...” (4/179).

कोण एकलो क्रिस्ती भावार्थी मरता तेन्ना मेल्ल्याच्या घरांत वचून ताच्या घरच्यांक पाद्रीन बुजवण दिवप म्हणल्यार ही एक भावपूर्ण करणी. पाद्री अशे तरेन पाद्री प्रजेच्या दुख्खांत वांटो घेवन बुजवण दिता तेन्ना प्रजेक समाधान मेळटा. *‘एक्सिडण्ट’* तियात्रांत पाद्रीचो बुजवणेचो रूपकार वास्तवीक रुपान लेखकान उजवाडाक हाडला.

### 6.3.3.4 शिंदळकी करतल्याक निटायेर हाडपी

*‘एक्सिडण्ट’* ह्या तियात्रांतलो पाद्री जेजू भाशेन पातकी मनशांक देवाची कृपा वांटपाचो उपाय घेता. पातक्यान पातक सोडून दिवंच्या हेतून वावुरतना दिसता. ह्या तियात्रांत फातिमा अर्थीक परिस्थितीक लागून शिंदळकेचो धंदो करता. फातिमाच्या बापायक पाद्री विगार सांगता, “ज्योकीं तुजी धूव कुडीचो धंदो करून दुडू एकठांयता... देवाचे सुमुर्तीचेर आड वचप...? हें सारकें ना... वाट चुकोन पातकी रस्त्यार चलता त्या शेळ्यांक बरी वाट दाखोवंक म्हजी जाबाबदारी” (4/212).

शिंदळकेचो वेवसाय आमच्यांनी न्हयकारपाक जायना. हो वेवसाय समाजाचो एक भाग जाल्लो आसा. लेखक असल्याच समाजाचो दिश्टावो करून दिता. शिंदळकी एक धंदो कसो अस्तुरी आपणायता. कोण एक अस्तुरी ह्या धंद्या कडेन वळपाक वेगवेगळीं कारणां आसूं येतात. तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्ली अस्तुरी अर्थीक परिस्थितीक लागून ह्या धंद्या कडेन वळटा तेन्ना तिका गुन्यांवकार म्हणची वा ना? ह्या विचाराक वेगवेगळे तरेची जाप दिवपाक जाता. ह्या प्रस्नाची जाप: “हें सारकें ना” अशें पाद्रीच्या संवादांतल्यान आयल्या पूण असले परिस्थितींत कसलो उपाय काडचो हें सांगपाक मात पाद्री कमी पडटा. क्रिस्ती धर्मीक नेम शिंदळकी ही पातकाची वागणूक म्हूण घोशीत

करता. एक अस्तुरी अर्थीक परिस्थितीक लागून ह्या धंद्यांत पावल्या हाका लागून तिची पातकाची खराय मात कमी जायत पूण ती क्रिस्ती धर्मीक नेमा प्रमाण पातकी थारता. तोमाझिन्यु कार्दोजालो हो तियात्र धर्मीक विचारां कडेन सहमत जाता पूण अशे तरेच्या समाजीक प्रस्नाक उपाय सुचोवपाक फाटीं पडटा.

### 6.3.3.5 प्रस्न सुटावो करूंक मार्गदर्शन करपी

*'दिता तो घेता'* ह्या तियात्रांतलो पाद्री एक मानाची व्यक्ती म्हणून दाखोवन दिल्लें आसा. ह्या तियात्रांत मिलाग्रीन आदीं आयजिपी आशिल्ल्या आपल्या घरकाराचेर हुकूमशाय चलयता आनी आपले काजार केल्ले धुवेक (फॅल्सी) आपले भाशेन वागपाक हुसकायता. फॅल्सी तशें वागपाचो प्रयत्न करता पूण आपल्या घरकारा (एलॅक्स) फुड्यांत तें उणें पडटा देखून घरकाराच्या बापायक (पास्कू) सतायता. रोझिताक (जाका आदीं पास्कून आपलो जीव वांचयिल्लो आसता) हें कळटा तेन्ना तें मिलाग्रीनाच्या पुता कडेन काजार जावन मिलाग्रीनाक नाकापुरो करून बुद्द शिकयता. खरें म्हणल्यार रोझिता रीत-माणसुकेचें चेडूं, निश्ठुरायेन वागपाक पाद्री विगार ताका मार्गदर्शन करता. पाद्री विगाराचो ताका तशें मार्गदर्शन करपा फाटलो एकूच हेतू. तो म्हणल्यार मिलाग्रीनाची चूक निटायेर हाडून तांचे फामिलीचो प्रस्न सुटावो करचो असो. पाद्री विगार अखेरेक येसस्वी जाता.

मनीस आपली जीण जगतना वेग-वेगळयां प्रस्नांक फुडो करता. प्रस्न मनशाचें जिवीत भारादीक करून सोडटा. कांय फावटीं मनीस आपले प्रस्न आपले आपूण सोडयता वा कांय फावटीं आपुणूच तातूंत शिरकून उरता. मनीस प्रस्नांनी शिरकून उरता तेन्ना ताका सोडोवंक कोणाचो तरी आदार जाय पडटा. असले परिस्थितींत जो कोण पावता तो

खरेंच मानाचो थारता. तोमाझिन्यु कार्दोजान पाद्रीक प्रस्न सुटावो करूक मार्गदर्शन करपी असो चितारला.

### 6.3.3.6 लांब सेर्मांव सांगून कंठाळो हाडपी

*'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* ह्या तियात्रांत जुजू हें पात्र ज्योकींक पाद्रीच्या सेर्मांवा विशीं सांगता, "आरे आयताराचो हो पाद्र विगार सेर्मांव सांगता तो सेर्मांव रे? एकदां ताणें तोंड उगोडलें की ना, तें आनीक बंद करूक तो नोकळो रे बाबा. म्हज्या असलो कोण पळे आसा तो सेर्मांव सांगताना बरी झेम काडटा. आनी थोडे आमचे आसात ते हा... हा...ह... करून जांबयो काडटात" (2/81).

सेर्मांव हो एक मिसाचो भाग. ह्या सेर्मांवांत देवाच्या उतराची फोडणिशी जाता. पाद्री हांगा देवाच्या उतराची समजणी  दिवन तें देवाचें उतर दर एकल्याच्या जिवितांत कशें जियेवं येता तें सांगता. लेखकान सेर्मांवाचो उल्लेख केल्लो मेळटा. "पाद्र विगार सेर्मांव सांगता तो धाकटुलोच सांग, पूण रुचीचो सांग"  अशे तरेन लेखक पाद्रीन केल्ल्या लांब सेर्मांवाचेर जुजूच्या पात्रा वरवीं बडी मारता आनी सेर्मांव ल्हान करचो अशी ह्या पात्रा वरवीं सुचनाय करता. लेखक *'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* ह्या तियात्रांत पाद्रींच्या सेर्मांवा विशीं लोकांच्या मनांत जें  कितें आसा तें उकतेपणीं नदरेक हाडपाचें धाडस करता.

### 6.3.3.7 संस्कारांक पयलो क्रम दिवपी

*'दिता तो घेता'* ह्या तियात्रांत पाद्री विगाराक न्हवऱ्याचो बापूय पास्कू आपल्या पुताच्या काजारा दिसा हॉलांत कित्याक येवंक ना असो प्रस्न करता तेन्ना पाद्री विगार सांगतना दिसता, "आरे, कितें सांगूं, काजाराच्या हॉलांत वोचून एलॅक्साक परबीं दितोलों म्हूण न्हेसन भायर सरतालों मात, संतेसांव आयलें, मागीर कितें करतोलों? पयलें ओब्रिगासांव न्हय? संतेसांव घेवन वयचोच पडलो" (3/106).

पाद्री हो देव मुणयारी  प्रजेचें आत्मीक पोशण करपा खातीर आसता. देव प्रजेचें आत्मीक पोसण करतना ताचें एक मुखेल कार्य म्हणल्यार संस्कार वांटप. क्रिस्ती मनशाच्या जल्मा ते मरणा मेरेन सात संस्कार लागू जातात. हे संस्कार वांटपाची आपली मुखेल जबाबदारी अशें मानपी. वयर नोंद केल्ली देख ध्यानांत घेतली जाल्यार लेखकान चित्रीत केल्लो पाद्री संस्कारांक अदीक म्हत्व दिता तें दिसता.

### 6.3.3.8 व्हंकल-न्हवऱ्याक त्रास करपी

*'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* ह्या तियात्रांत जुजू हें पात्र पाद्री विगाराचे वायट वागणुके विशीं म्हणटा, "कोणाक काजार जावपाक परयांत थार आसा रे? दोतोनीक लागून पळे तो व्हंकल-न्हवऱ्याक सतायता, तें आनीक सांगपाचें न्हय रे बाबा. आरे दोतोन विचारता म्हूणन कसली रे? देव कितले, देवाक भाव कितले, देवाच्या भावाक भयणी कितल्यो, देवाच्या भावाच्या भयणीक घोव कितले... (2/81-82).

व्हंकल आनी न्हवरो काजार जावपाक फुडें सरतात तेन्ना तांणी कांय म्हयने आदीं पाद्री विगाराक मेळपाक सक्तीचें आसता. काजारा संबंदीं पवित्र सभेचे नेम आनी कायदे मनांत बाळगून पाद्री विगार तांकां मार्गदर्शन दिता. व्हंकल-न्हवऱ्यान क्रिस्ती मुळावी दोतोन तोंडपाठ जाणा जावप खूब म्हत्वाचें. खरें म्हणल्यार ही क्रिस्ती मुळावी दोतोन तीं सात-आठ वर्सांचे पिरायेचीं आसतना पयलो कुमुन्यांव घेतना शिकिल्लीं आसतातूच. कांय फावटीं ही मुळावी दोतोन घेतना व्हंकल आनी न्हवऱ्याक शेळो घाम सुट्टा. अशा वेळार पाद्री विगार त्रास करता अशें कांय जाणांक दिसता. लेखकान अशेच तरेच्या पाद्री विगाराचें चित्रण केल्लें आसा.

*'अंतस्कर्ण आनी कायदो', 'कांटेच कांटे', 'दिता तशें घेता'* आनी *'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांनी पाद्रींचीं अनेक पात्रां पडबिंबीत जाल्यांत. अंतस्कर्णाची वाट दाखोवपी,

राजकारणांत मिसळ जावपी, बुजवण दिवपी, शिंदळकी करतल्याक निटायेर हाडपी, प्रस्न सुटावो करूंक मार्गदर्शन करपी, संस्कारांक चडांत चड म्हत्व दिवपी  अशे तरेन पाद्रींच्या गुणांची लेखक तुस्त करता जाल्यार कांय कडेन तांचे दोश दाखोवपाक फाटीं रावना.

### 6.3.4 क्रिस्ती देवोसांवां

क्रिस्ती धर्माचें मुळावण आनी बांदावळ भक्ती-पुजेचेर निंबून आसा. क्रिस्ती धर्मांत ही भक्ती-पुजा साबार तरांच्या देवोसांवां वरवीं जाता. तोमाझिन्यु कार्दोजान ह्या देवोसांवांचो खूब प्रमाणांत वापर केल्लो दिसता. कांय देखी अश्यो आसात:

#### 6.3.4.1 तेर्साचें मागणें

‘*अर्थ*’ तियात्रांत रोजा जें सांजेच्या वेळार सदांच तेर्साचें मागणें करपी, तें नुस्तेकान्नीक अशे तरेन प्रस्न करता “आनी हें गो, सांजेचो सदांच सायबिणीचो तेर्स बा करता मुगो?” (4/123).

‘तेर्साचें मागणें’ हें क्रिस्ती कुटुंबाचें दीसपट्टें मागणें. हें मागणें चार मुखेल मिस्तेरांनी वांटिल्लें आसा. हे चार मुखेल मिस्तेर अशे: संतोसाचे मिस्तेर (जे सोमाराचे आनी शेनवाराचे करचे आसतात), दुखीचे मिस्तेर (जे मंगळाराचे आनी शुक्राराचे करचे आसतात), होरकारचे मिस्तेर (जे बुधवाराचे आनी आयताराचे करचे आसतात), आनी उजवाडाचे मिस्तेर (जे बिरेस्ताराचे करचे आसतात). हे मिस्तेर खंयच्या दिसा करचे हेंय पवित्र सभेन नेमिल्लें आसा. ‘तेर्साचें मागणें’ हें जरूय क्रिस्ती कुटुंबाचें दीसपट्टें मागणें तरूय तें आयताराचें मिसाक वचपाक सक्तीचें आसता तशें सक्तीचें नासता. तें आपखोशेन करपाचें मागणें. तें आपखोशेन करपाचें मागणें आसून पासून क्रिस्ती कुटुंबां नेमान करीत आयिल्लें मागणें. क्रिस्ती कुटुंब हें मागणें क्रिस्ती भावार्थाचें दायज कशें

लेखतात. ह्याच कारणाक लागून तें सक्तीचें नासून पासून क्रिस्ती कुटुंब नेमान करपाचें आव्हान स्विकारतात. लेखक *'अर्थ'* तियात्रांत रोजा ह्या पात्राक हें अशेच तरेचें आव्हान स्विकारतना चित्रायता. गोंयच्या समाजांत कितलींच कुटुंबां आसात जीं नेमान तेर्साचें मागणें करतात. तांचो रूपकार रोजा ह्या पात्रा वरवीं लेखकान चित्रीत केला.

रोजा नेमान तेर्साचें मागणें करचें करून आपल्याक क्रिस्ती भावार्थाचें दायज सांबाळपाची जबाबदारी लागू जाल्ली वळखून घेवन म्हत्वपूर्ण प्रस्न करता. लेखक ह्या पात्राच्या संवादा वरवीं क्रिस्ती जबाबदारी पूर्ण करूंक आनी तर्साचें मागणें नेमान करून भावार्थाची परंपरा सांबाळूंक सुचयता. *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्याय तियात्रांत पावलू ह्या पात्रा वरवीं आपले घरकान्नीक तेर्साचें मागणें करूंक नाशिल्ल्या कारणान लेखक शिटकायतना दिसता (4/24). तेर्साचें मागणें आत्मीक जिविताक खूब फायद्याचें अशी शिकवण मेळटा आनी तेच बराचबर जाणें कोणें हें मागणें सोडून दिलां तांकां तें मागणें नव्यान करपाक ह्या तियात्रांनी उलो मारला.

### 6.3.4.2 आयमोरेचें मागणें

*'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत आयमोरेची घांट वाजता तेन्ना आयमोरी करपाक पावलू आपल्या भुरग्यांक उलो करता तेन्ना तीं ताका जाप दितात, "डॅड, आयमोरी बा म्हणटात ती आदल्या काळार. डॅड आयचो काळ डिस्को एज डॅड" तांची आवय हे असले चुकीचे मानसीकतायेक प्रोत्साहन दिता. फुडें मागीर पावलूचो भाव जो कॅनडा साकून आयिल्लो आसता तो हांकां सगळ्यांक घेवन आयमोरी करता (4/11f,26).

फांत्यार, दनपारच्या बारा वरांचेर आनी सांजेच्या सुमार सातांक अशे तरेन दिसाक तीन फावटीं आयमोरी वाजता. ही आयमोरी वाजता तेन्ना खास करून सांजेच्या वेळार आयमोरेचें मागणें करप आसता. हें मागणें करपाक घरांतले सगळे वांगडी आल्तारा

मुखार एकठांय येतात. *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत पावलू आपल्या भुरग्यांक आयमोरी करपाक उलो करता तेन्ना तीं आल्तारा मुखार एकठांय येवंचीं अशी ताची अपेक्षा आसता. भुरग्यांची जाप आयकून ताचो अपेक्षाभंग जाता.

*'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* हो तियात्र 2000 ह्या वर्साच्या काळाचें दर्शन घडयता अशी लेखक तियात्रा विशीं बरयतना नोंद करता. 2000 वर्साचो काळ मॉडर्न काळ असो उल्लेख मेळटा. ह्या काळा मजगतीं आयमोरे विशीं जी मानसीकताय आसली तिचेर हो तियात्र उजवाड घालता. आयचे पिळगेक आयमोरी ही काळा भायली अशी दिसता आनी हे मानसीकतायेक प्रोत्साहन दिवपी आनी विरोध करपी पालक नदरेक पडटात. पावलूचो भाव जो कॅनडा साकूय आयिल्लो आसता ताका जाल्यार हें आयमोरेचें मागणें भावार्थाचें दायज कशें दिसता आनी तें तिगोवन दवरप आपली जबाबदारी म्हणून स्विकारता. आयच्या मॉडर्न काळांत पासून आयमोरेचें मागणें आत्मीक जिविताक खूब फायद्याचें असो उगडास करून दिता आनी जांणी कोणें हें मागणें सोडून दिलां तांणी तें नव्यान सुरू करपाचो हो तियात्र उलो मारता.

*'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत रोजीन हें पात्र म्हणटा, "आयमोरी जावंचे पयलीं मायकल  घरांत आयलो ना जाल्यार म्हाका ताचो हुसको जाता. आयच्या काळार कितें घडत तें सांगों येता?" (4/123). आदल्या कुटुंबांनी सांजेची आयमोरी वाजचे पयलीं भुरग्यांनी घरांत हाजीर जावपाक, तांकां कुटुंबाचो नेम लागू जातालो. ह्या काळांत आयमोरी वाजचे पयलीं घरांतल्यां भुरग्यांनी घरांत हाजीर जावपाचो नेम गंभीरपणान पाळप जातालें. आतांच्या काळार हो नेम कडेक पडला.

### 6.3.4.3 लादाइनीचें देवोसांव

*'समाज सेवा'* ह्या तियात्रांत लेखकान चवथो पड्डो पुरायपणीं लादाइनीच्या देवोसांवांक भेटयला. ह्या देखाव्यांत प्रत्यक्षांत देवोसांव चालू आसा आनी तें शेवटाक पावलां तें ह्या सकयल नोंद केल्ल्या गायना वरवीं थावें जाता.

मिलाग्ररोजा सांता क्रूझ

रोगाय जेजूस पोर नोस

रोगाय जेजूस पोर नोस (1/89)

हें गायन जातोच सगळीं शेवटाचें मागणें म्हणटात. लेखकान पयलेच खेपे अशे तरेन प्रत्यक्षांत देवोसांव प्रेक्षकां मेरेन व्हरपाचो प्रयत्न केला.

लादाइनीचें देवोसांव कसल्याय योग्य कारणाक लागून खुरसा म्हऱ्यांत वा घरांत जाता. ही लादाइन घरांत सायबीण येता तेन्ना जाता वा देवाक केल्लें सांगणें देवान फावो केलें देखून कसलीय आंगवण फारीक करपाच्या हेतान खुरसा म्हऱ्यांत करप जाता. ह्या देखाव्यांत, हें देवोसांव कोतरीन खुरसा म्हऱ्यांत करता अशें चित्रण आयलां पूण तें देवोसांव करपाचें कारण सांगूंक ना.

लादाइनीचें देवोसांव जाले उपरांत फोगेट्र्यो मारप जातात आनी हाजीर आशिल्लो लोक खुरसाचो उमो घेतना दिसतात. फोगट्र्यो मारप आनी खुरसाचो उमो घेवप. हो ह्या देवसांवाचो भाग लेखकान  योग्य रितीन चित्रीत केला. हें देवोसांव इतल्यान सोंपना चणे वांटप जाता, सोरो दिवप जाता आनी तशेंच खाण-जेवण आसता. हें सगळें लेखकान बारीसाणीन नोंद केल्लें आसा. जशें लादाइनीच्या देवोसांवांत खरेपणीं घडटा तें लेखकान ध्यानांत घेवन योग्यपणीं पडबिंबीत केलां.

*'समाज सेवा'* हो तियात्र 1990च्या सुमाराचें दर्शन घेवन येता. ह्या काळार धर्मीक समारंभ जाले उपरांत सोरो वांटप जातालें. "धर्मीक समारंभ जाल्या उपरांत सोरो दिवपाक बंद केल्यार खूब बरें जातलें". धर्माध्यक्षान अशे तरेची सुचोवणी 2000 वर्साच्या अदमासाक केल्ल्याची खबर '*The Changing Faces of Christianity in Goa. From Being Portuguese to Being Indian ?'* ह्या चार्ल्स बोर्जीसाच्या सोदलेखांत मेळटा (Borges). हेच सुचोवणेक लागून धर्मीक समारंभ जाले उपरांत सोरो दिवपाचें बंद जालां. लेखकान जें लादाइनीचें चित्रण केलां ते 2000 वर्सां आदींच्या काळा कडेन बोट दाखयता.

लादाइनीच्या देवसांवाक शेजाऱ्यांक आनी लागशिल्ल्यांक आमंत्रण आसता. हे लादाइनीक पांडू हें हिंदू पात्र आसता. लादाइनीचें देवोसांव फकत क्रिस्तांव समाजा पुरतेंच शिमीत ना. लादाइनीचें देवोसांव हेर धर्मांच्या लोकांक उकतें आसता ताचें चित्रण लेखकान केल्लें आसा.

### 6.3.4.4 पेरपेत सुकूर सायबिणीचें देवोसांव

*'इंस्पेक्टर'* तियात्रांत रोल्दांव हें पात्र आपली देवभक्ती ह्या उतरांनी व्यक्त करता "पेरपेत सुकूर सायबिणी हांव तुका तीन वाती पेटोयतां... (5/177).

मारिया सायबिणीक वेग-वेगळ्या नांवांनी पाचारतात. वयर उल्लेख जालां तें (पेरपेत सुकूर सायबिणी) हेच सायबिणीचें नांव. गोंयांत पेरपेत सुकूर सायबीण ह्या नांवान पाचारतले सायबिणीची खूब प्रमाणांत भक्ती दिसता. गोंयांत चडश्या इगर्जांनी दर बुधवारा तिचें नोवेनाचें मागणें जाता. भावार्थी दर बुधवारा तिचें नोवेन करून आपलें सांगणें तिका करतात. आपलें काम जाले उपरांत तिका वाती पेटोवपाची भासावणी करतात. तोमाझिन्यु कार्दोज रोल्दांव ह्या पात्रा वरवीं पेरपेत सुकूर सायबिणीच्या

देवोसांवांचो उल्लेख करतना गोंयच्या समाजांत अस्तित्वांत आशिल्ल्या ह्या देवोसांवांचो उगडास करून दितात.

### 6.3.4.5 गोंयच्या सायबाचें देवोसांव

*'इंस्पेक्टर'* तियात्रांत रोल्दांव हें पात्र आपली देवभक्ती  ह्या उतरांनी व्यक्त करता "गोंयच्या सायबा तुका 6 वाती पेटोयतां..." (5/177).

दर वर्सा डिसेंबराचे 3 तारखेर सांत फ्रांसीस शावियेराची म्हणल्यार गोंयच्या सायबाची परब जाता. गोंयांत ह्या भक्ताची अमर कूड राखून दवरिल्ली आसा. ह्या गोंयच्या सायबाच्या देवोसांवांत न्हय फकत क्रिस्ती भावार्थी वांटो घेतात पूण हेर धर्मांचे लोकूय भावार्थान वांटो घेतात. हें गोंयच्या सायबाचें देवोसांव फकत गोंया पुरतेंच मर्यादीत ना, गोंयचे भायले आनी भारता भायले ह्या देवोसांवांत वांटेकार जातात. अशे तरेन गोंयच्या सायबाचें देवोसांव गोंयांत व्हड प्रमाणांत चलता. तोमाझिन्यु कार्दोज रोल्दांव ह्या पात्रा वरवीं ह्या देवसांवाचो उगडास करून दितात. खरें म्हणल्यार समाजांत जें कितें चलता ताचेंच पडबिंब लेखक त्या तियात्रांत दाखयता.

### 6.3.4.6 सांता खुरसाचें देवोसांव

*'इंस्पेक्टर'* तियात्रांत रोल्दांव हें पात्र आपली देवभक्ती  ह्या उतरांनी व्यक्त करता "…सांता खुरसा पाय, तुका 9 वाती पेटोयतां... (5/177).

जेजूच्या मर्णा आदींच्या काळार खुरसाचें मरण म्हणल्यार लजेची गजाल आसली. चोरांक आनी गुन्यांवकारांक खुरसाचेर खिळायताले. जेजून ह्याच खुरसाचेर मरून मनीसकुळाक तारण हाडलें अशें क्रिस्तांवां मानतात. जेजूच्या मर्णान खुरसाक म्हत्व आयलें. खुरीस लजेची खुणा आसली ती पवित्रतायेची खुणा जावपाक पावली. हाकाच

लागून खुरीस क्रिस्तांव धर्माची निशाणी जावंक पावला. क्रिस्तांव समाज जंय वसती करता थंय खुरीस ताचे बराबर आसताच. हो खुरीस वेग वेगळया जाग्यांचेर पळोवपाक मेळटा. इगर्जांनी, कपेलांनी, घरांत, घरा भोंवतणीं, रस्त्याच्या कुशींनी आदी. गोंयांत तर साबार खुरीस आसात जांची परब जाता. खुरसा म्हऱ्यांत येवन आंगवण करप जाता. आपली आंगवण फारीक करपाच्या हेतान खुरसा म्हऱ्यांत तेर्स करतात, लादाइन करतात, वाती पेटयतात. गोंयच्या समाजांत आशिल्ली अशे तरेची भावार्थाची चाल तोमाझिन्यु कार्दोज रोल्दांव ह्या पात्रा वरवीं उजवाडाक हाडटात.

तेर्साचें देवोसांव, आयमोरेचें देवोसांव, लादाइनीचें देवोसांव, पेरपेत सुकूर सायबिणीचें देवोसांव, गोंयच्या सायबाचें देवोसांव, खुरसाचें देवोसांव आदी, ही सगळीं देवोसांवां तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी कळटां-नाकळटां प्रदर्शीत केल्यांत.

### 6.3.5 दयाळ करण्यांचें पालन

पवित्र सभेची मुळावी दोतोन शिकतना *'दयाळ करण्यो'* शिकप एक म्हत्वाचो भाग आसता. ह्यो दयाळ करण्यो कुडीच्या फायद्याच्यो आनी आत्म्याच्या फायद्याच्यो अश्या दोन भागांनी वांटिल्ल्यो आसात. एका-एका भागांत सात दयाळ करण्यांचो आसपाव आसा. कुडीच्या फायद्याच्यो दयाळ करण्यो ह्यो: भुकेल्ल्यांक जेवण दिवंचें, तानेल्ल्यांक पियेवंक दिवंचें, विंगळयांक न्हेसूंक दिवंचें, पिडेवंतांची खबर घेवंची आनी तांकां जाता तो आदार दिवंचो, बंदखणींत आसलेल्यांक भेट दिवंची आनी मेलेल्यांक मातयेक लावंचीं. आत्म्याच्या फायद्याच्यो दयाळ करण्यो ह्यो: पेल्याक बरी बुद्द दिवंची, नेणारांक शिकोवंचें, चुकलेल्यांक निटायेर हाडचीं, दुखेस्तांक बुजवण दिवंची, अपमान करतल्यांक भोगसुंचें, पेल्याची अस्कताय सोंसणिकायेन भोगची आनी जिव्यां आनी

मेल्ल्यां खातीर प्रार्थन करचें. ही पवित्र सभेची मुळावी दोतोन तोमाझिन्यु कार्दोजान कांय तियात्रांनी हाडल्या ती देखीं सयत स्पश्ट करतां.

*‘अर्थ’* तियात्रांत राजू हो पत्रकार रोजाची मुलाखत घेवंक आयिल्लो आसतना म्हणटा, “... लोक सांगता की रोजा बाय जाणट्यांच्या घराक भेट दिता खंय, आनी जे जाणटे दुयेंत आसात तांचो कुयदाद करता खंय” (2/120). रोजा पिडेवंताची खबर घेवन आनी तांकां जाता तो आदार दिवन ही दयाळ करणी आपल्या जिवितांत पाळटा.

*‘इंस्पेक्टर’* ह्या तियात्रांत जेलिया आपल्या मोगी (दोतोर) विशीं आपल्या बापायक सांगता, “… हो तो मनीस जो जेवंक नासलोल्यांक जेवंक दिता, न्हेसूंक नासलोल्यांक न्हेसूंक दिता, आदार नासलोल्यांक आदार दिता” (5/162). दोतोर आपल्या जिवितांत दयाळ करण्यो पाळटा.

*‘चुकलेल्यांक निटायेर हाडचीं’* ही दयाळ करणी *‘भुरगीं आमचीं गिरेस्तकाय’* ह्या तियात्रांत समाज सेविका बारबोजा पाळटा. तिच्या वाठारांतलीं तरणाटीं जीं घुंवळे वखदांक आनी हेर तरांच्या वायटांक सांपडिल्लीं आसतात तांकां मार्गदर्शन करून निटायेर हाडपाक येसस्वी जाता आनी ह्या तिच्या बऱ्या वावरा खातीर तिका राज्य तशेंच राष्ट्रीय पुरस्कार पासून फावता.

*‘अपमान करतल्यांक भोगसुंचें’* ही दयाळ करणी तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांतलीं पात्रां पाळटना दिसतात. देखीक: *‘उतरां आनी करण्यो’* ह्या तियात्रांत रॉक आपल्या पोसक्या भावाक, नितीनाक, सतायता आनी घरांतलो भायर घालता. तियात्राच्या शेवटाक रॉक नितीना कडेन ह्या उतरांनी भोगसणें मागता: “नितीन, म्हज्या भावा, खरेंच तूं माहान आसा. हांवें तुका इतलें दूख दिल्या उपरांत तुवें म्हाका भोगशिलोय...” नितीन हांगा आपल्या भावाक भोगसणें दितना दिसता. असलेंच चित्रण *‘झोगझोगता तितलेंय*

*भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत पळोवपाक मेळटा. पास्कू हें पात्र  म्हणटा, "हें आयज हांव कितें पळेतां. लिना, फोरसू आनी कारमीन आनी ह्या भेसार? आनी म्हजे लागीं गुन्यांव भोगसूंक मागूंक?" (4/109). लिना आपल्या न्हवऱ्याच्या सांगण्या प्रमाणें, आपल्या खारवी कुटुंबाची लज दिसता  म्हणून, घर सोडून फ्लॅटांत रावपाक गेल्लें.  फोरसू आपले घरकान्नीचें आयकून नुस्त्याचो धंदो सोडून गल्फाक गेल्लो. पास्कूक ताचें दोळयांचें ऑपरेशन करूंक पयश्यांची गरज आसली अशा वेळार लिना आनी फोरसू भावाक आदार करिनात आनी वयल्यान भांगराचो वांटो मागून घर सोडून वतात. शेवटाक हींच लिना आनी फोरसू प्रसंगाक सांपडटात आनी आपल्या भावा लागीं माफी मागतात. पास्कू तांकां उदार मनान भोगसणें दिता.

*'नेणारांक शिकोवंचें'* ही दयाळ करणी  *'उतरां आनी करण्यो'* ह्या तियात्रांत आयल्या. नितीन लाडू ह्या पात्राक स्वता शिकयता. नितीनाक उल्लेखून लाडू ह्या पात्राचो असो संवाद आयकुपाक मेळटा, "बाय गो, हांव आतां सारको सुधारलों, बरो मनीस जालों. वाचूंक आनी बरोवंकूय शिकलों... (1/146). नितीन फकत लाडूकूच न्हय पूण गांवांत शाळा घालून गांवचें नेणारपण पयस करूंक वावुरता. होच नितीन फुलूक उल्लेखून दयाळ करण्यां संबंदान म्हणटा, "फुलू, म्हाका सांगपाची गरज ना, तुजे विचार खूब विशाळ आसात. भुकेल्ल्यांक तुज्या घरांत खावंक मेळटा, तानेल्ल्यांक पिवंक मेळटा आनी विंगळयांक न्हेसूंक मेळटा, काचाबूल जाल्ल्या मनाक ह्या घरांत शांती मेळटा, वाटसुऱ्यांक ह्या घरांत थारो मेळटा, जशे परीं म्हजेच सवें घडलां" (1/150).

क्रिस्तांव भावार्थी जेन्ना पयलो कुमुन्यांवाचो साक्रामेंत घेवपाचीं आसतात तेन्ना तांणी पवित्र सभेची मुळावी दोतोन शिकप सक्तीचें आसता. *'दयाळ   करण्यो'* हो एक दोतोनीचो भाग. होच दोतोनिचो भाग  लेखकान आपल्या तियात्रांनी साबार कडेन आसपावून घेतिल्लो आसा.

## 6.4 निश्कर्श

धर्म म्हणल्यार देवाचेर भावार्थ दवरचे परस तत्वां-मुल्यांचें पोसवण करप हें अदीक मोलाचें अशें तोमाझिन्यु कार्दोज हांणी आपल्या तियात्रांनी दाखयलां. धर्म म्हणल्यार दुसऱ्या धर्मांच्या मनशांक वायट करप न्हय पूण दुसऱ्या धर्मांच्या मनशां कडेन मनीसपणान जगप हें तत्व उजवाडाक हाडटना मनीसधर्माचो प्रचार केला. मनीसधर्माच्या तत्वां-मुल्यांचो प्रचार जाल्लो आसा. देव फकत एकूच आसा हें सत्य तांच्या तियात्रांनी नियाळपाक मेळटा आनी ही तांणी पडबिंबीत केल्ली देव संकल्पना क्रिस्ती आनी इस्लाम धर्मांचे शिकवणेक लागींची आसा.

धर्मांचें बंधन पार करून आंतरधर्मी लग्नांचें जैत जाल्लें तांच्या तियात्रांनी दिसता. आंतरधर्मी लग्नाचे मानसीकतायेक तांच्या तियात्रांनी प्रोत्साहन मेळटा. धर्मा परस गोंयकारपण अदीक म्हत्वाचें म्हणल्यारूच गोंयांत आशिल्लो गोंयकार खूब मोलाचो अशें चित्रीत जालां देखून हिंदू आनी क्रिस्तांव हांचीं फेस्तां म्हणचे परस गोंयचीं फेस्तां म्हणपाक तांचे तियात्र प्रवृत्त करतात.

लेखकान चित्रीत केल्लीं साबार पात्रां देवाक प्रस्न करतात. हे तांचे प्रस्न कांय फावटीं देवाचेर शीण काडटात जाल्यार कांय फावटीं देवा वयलो भरवंसो उबोवन उडयतना दिसतात. हे तांचे प्रस्न समाजांत आशिल्ल्या प्रस्नांचो रूपकार.

मनीस मेले उपरांत मनशाची मनसुबी जाता ते विशींचे जे विचार लेखकाल्या तियात्रांत आयल्यात ते हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्ती धर्मांक लागींचे कशे दिसतात पूण हे विचार क्रिस्ती धर्माचे म्हणपाचें थावें जाता.

कार्दोज हांच्या तियात्रांनी संस्कार समारंभाचे देखावे येवंक नात. ‘पवित्र स्नान वा बावतिज्म’, ‘पयलो कुमुन्यांव’, ‘कुमसार’, ‘संतेसांव’ आनी ‘काजार’ ह्या पांच

संस्कारांचो उल्लेख मात केल्लो मेळटा. थिरावणे संस्कार वा क्रिज्म आनी देव-मुणयाऱ्यांची संस्कारणी वा ऑर्द ह्या दोन संस्कारांचो खंयच उल्लेख केल्लो मेळना. लेखकान जे तरेन क्रिस्ती संस्कारांचो उल्लेख केला ते तरेन हेर धर्मांच्या संस्कारांचो उल्लेख केल्लो मेळना. लेखक क्रिस्ती भावार्थी आशिल्ल्या कारणान तांकां क्रिस्ती संस्कारांचो अणभव आसा आनी हो अणभव लेखकान साबार तियात्रांनी चित्रायला.

आयताराक आनी हेर नेमिल्ल्या दिसांनी मिसाक वचपाक जाय अशें सांगून तांचे तियात्र पवित्र सभेच्या नेमांचो उगडास करून दितात. लोकांक दाखोवंचे खातीर सदांच मिसाक वच्चे परस मिसा बलिदानाचो खरो अर्थ जाणून घेवन खरी भक्ती देवाक उबारप हेंच खरें मागणें अशे तरेची शिकवण तांच्या तियात्रांनी आयल्या. मिसांत भाग घेतना मिसा बलिदानांत आपल्याक जो कितें संदेश फावला ते प्रमाणें आपलें जीवन जगप हेंच की खरें मीस असो संदेश तांच्या तियात्रांत मेळटा. कोंकणी मनशान इंग्लीश मिसाक वचून आपल्याक खोटी प्रतिश्ठा मेळोवंचे परस कोंकणी मिसा बलिदानांत भाग घेवप अदीक म्हत्वाचें अशें लेखकान दाखोवन दिलां. लेखकान क्रिस्ती धर्माच्या मिसा विशीं जे तरेन उल्लेख केल्यात ते तरेन हेर धर्मांच्या संस्कारां विशीं उल्लेख केल्लो मेळना.

कार्दोज हांच्या तियात्रांनी पाद्रींचीं अनेक पात्रां आयल्यांत पूण हीं पाद्रींचीं अनेक पात्रां केंद्रस्थानार आशिल्लीं खंयच दिसनात. लेखकान जशीं पाद्रींचीं अनेक पात्रां चित्रायल्यांत तशीं भटाचीं आनी मौलानाचीं पात्रां चित्रावंक नात. लेखकान आपल्या तियात्रांत चडशे क्रिस्तांव घराबे दर्शयल्यात हाका लागून तांच्या तियात्रांनी पाद्रींचीं अनेक पात्रां येवप स्वभावीक. तांकां पाद्री ही संकल्पना खूब लागींची दिसता. हे संकल्पनेचो ते आपल्या तियात्रांत योग्यपणीं वापर करतात. लेखक ल्हानपणा साकून पाद्रींक खूब लागींच्यान वळखतात. तांचे गूण आनी दोश तांकां खूब बरे तरेन खबर आशिल्ल्यान तांणी तांचें वास्तवीक रूप लेखकान सहजपणीं उजवाडाक हाडलां.

जे तरेन लेखकान क्रिस्ती देवोसांवांचो वापर केला ते तरेन हेर धर्मांच्या देवोसांवांचो वापर केल्लो दिसना. लेखक जरूय चडश्या प्रमाणांत समाजीक प्रस्न प्रेक्षकां मुखार व्हरपाचो प्रयत्न करता तरूय ते क्रिस्ती धर्मीक समाजाचे घटक जाल्ल्यान क्रिस्ती देवोसांवांचो प्रचार करतना दिसतात. लेखकान चित्रीत केल्लीं देवसावां क्रिस्ती समाजाचो हारसो कशीं दाखयल्यांत.

कुडीच्या फायद्याच्यो आनी आत्म्याच्या फायद्याच्यो 'दयाळ करण्यो' तांच्या तियात्रांनी खूब प्रमाणांत आयिल्ल्यो आसात.

**प्रकरण 7**

# तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन: अर्थकारण

## 7.1 प्रस्तावना

फाटल्या प्रकरणांत धर्मकारण ह्या घटकाचेर आदारीत विश्लेशण केलां. ह्या प्रकरणांत समाज जीवनांतल्या फकत अर्थकारण ह्या घटकाचेर उजवाड घालून चिकित्सा करतना पयले सुवातेर लेखकान अर्थीक परिस्थितीचेर आदारीत केल्लें 'वर्गीकरण' कशे तरेन मांडलां ताचेर भाश्य केलां. फुडें पर्यटक गोंयांत आयले उपरांत तांच्या येण्या वरवीं गोंयच्या समाजाचेर अर्थीक वटेन कसो प्रभाव पडला ताचो नियाळ केला. घुंवळे वखदांचो धंदो आनी शिंदळकी वेवसाय हे विशीं अर्थीक घटकाची चिकित्सा केल्या. हाचे उपरांत स्थलांतराची अर्थीक बाजू मांडून जातकच पयश्यांचो वेव्हार कसो-कितें हे विशीं विश्लेशण केलां. शेवटाक लांच दिवप आनी घेवप हें केंद्र स्थानार दवरून ब्लॅकमेल, पयशेकारांचो राजकारणाचेर अर्थीक प्रभाव, नोकरी-विकरी आनी स्मग्लींग ह्या घटकांचेर उजवाड घाला.

## 7.2 अर्थीक वर्गीकरण

मनशांचीं वेगवेगळ्या तरांनी वर्गीकरणां केल्लीं नदरेक पडटात. तातूंतलें एक म्हणल्यार अर्थीक परिस्थितीचेर आदारून केल्लें 'वर्गीकरण'. ह्या वर्गीकरणा विशीं समाजशास्त्री वेगवेगळ्या मतांनी वांटून गेल्ले आसात. सामान्यपणान समाजशास्त्री पांच तरांचीं वर्गीकरणां मान्य करतात तीं अशीं: 1. धवाडो वर्ग, 2. उंचेलो मध्यम वर्ग, 3. सकयलो मध्यम वर्ग, 4. कामगार वर्ग 5. सकयलो वर्ग. वर्गीकरण करप सोंपें आसलें जाल्यारूय

ह्या वर्गीकरणाच्यो शिमो बांदून घालप खूब कठीण अशें समाजशास्त्री हांच्या वेगवेगळ्या मतां वरवीं स्पश्ट जाता (What is Social Class?). सामान्यपणान उंचेलो वर्ग, मध्यम वर्ग आनी सकयलो वर्ग अशें वर्गीकरण केल्लें नदरेक पडटा. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांतलीं मुखेल स्थानार आशिल्लीं कुटुंबां नियाळाक घेतलीं जाल्यार तांणी उंचलो वर्ग, मध्यम वर्ग आनी सकयलो वर्ग ह्या तिनूय वर्गांचें चित्रण केल्लें आसा.

उंचेल्या वर्गांतल्या लोकां कडेन खूब संपत्ती आसता.  ह्या वर्गांतल्या लोकांक मान आनी प्रतिश्ठा आसता आनी हाकाच लागून अधिकार तांच्या वांट्याक येता. जमीनदार वा भाटकार, प्रसिद्द व्यक्ती, राजकारणी, भांडवलदार, आदवोगाद, दोतोर आदी व्यक्ती ह्या वर्गांत आसपावतात. ह्या वर्गाचें चित्रण तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी आयलां. देखीक: 'नोवी दिशा' ह्या तियात्रांत कोरदेरो  वेंचणुके वेळार सोपूत घेतना म्हणटा:

हांव फेरनार्दो कोरदेरो सोपुता खाला सांगतां की बॅंकांत म्हजे 3 क्रूट रुपया आसात, म्हजे धुवेच्या नांवार 80 लाख रुपया आसा. म्हजें एक घर आसा ताचो वालोर 50 लाख रुपया जाता आनी त्या शिवाय कालांगूट, कांदोलीं, म्हापसा आनी पणजे म्हजीं 11 फ्लॅटां आसा तांचो वालोर आगळो उणो 10 क्रूट रुपया. म्हजीं तीन फार्म हाव्सीस आसा-वालोर 3 क्रूट  आनी बेलगांवां एक हजार हॅक्टर्स जमीन आसा तिचो वालोर 70 लाख आसा (3/186).

हे देखींतल्यान कोरदेरो कडेन सुमारा भायर संपत्ती आसा तें थावें जाता. कोरदेरो एक राजकारणी आशिल्ल्या कारणान ताचे कडेन अधिकार आसा; ह्या ताच्या पदाक लागून ताका समाजांत मान आनी प्रतिश्ठा आसता. ह्या कारणांक लागून कोरदेरोचें कुटुंब उंचेल्या वर्गांत मोडटा. अशेच तरेन रापोजो भाटकाराचें कुटुंब (*अंतस्कर्ण आनी*

*कायदो*), डिक्रूज ह्या व्यापाऱ्याचें  कुटुंब (*आयचो समाज*), रापोजो ह्या मंत्र्याचें कुटुंब... हीं कुटुंबां उंचेल्या वर्गाचें प्रतिनिधित्व करतात.

मध्यम वर्गांतल्या लोकां कडेन इतली संपत्ती आसना.  उंचेल्या वर्गांतल्या लोकां इतलो मान आनी प्रतिश्ठा ह्या वर्गांतल्या लोकांक आसना आनी हाकाच लागून अधिकार तांच्या वांट्याक खूब कमी प्रमाणांत येता. ह्या वर्गाचें चित्रण तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांत खूब प्रमाणांत आयलां. देखीक: *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत एलॅक्स आपल्या बापायक सांगता, "... हे घे 5,000 रुपया. ह्या म्हयन्यांत तुका 1,000 रुपया थोडे दिल्या. म्हाका दुसरो देस्पेज आसलो न्हय?" (3/121). हीं थोडींच उतरां एलॅक्साल्या कुटुंबाची अर्थीक परिस्थिती जाणून घेवपाक म्हत्वाचीं थारतात. *'दिता तशें घेता'* हो तियात्र 1989 वर्साच्या काळा मजगतीचें दर्शन घडयता. ह्या काळार एका कुटुंबाक, तीन वांगड्यां खातीर 6,000 रुपया (5,000+1,000) एका म्हयन्याचो फकत जेवणाचो देस्पेज जावप म्हणल्यार हें कुटुंब मध्यम वर्गांत आसपावता असो अदमास आतांचो हिशोब पळयलो जाल्यार करूं येता. फकत जेवणाचोच देस्पेज भागाक धरून मध्यम वर्ग थारावंक येना. आनिकूय घटक म्हत्वाचे आसतात. देखीक राहाणीमान, न्हेसण, शिक्षण, नोकरी आदी. हें सगळें नियाळाक घेतलें जाल्यार तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्लीं चडशीं कुटुंबां मध्यम वर्गांत आसपावतात. देखीक: माग्दूलें कुटुंब (*म्होंवाळ वीख*), बारबोजालें कुटुंब (*भुरगीं आमची गिरेस्तकाय*), मिलाग्रीनालें कुटुंब (*दिता तशें घेता*).

सकयल्या वर्गांतल्या लोकां कडेन खूब कमी पयशे आसतात. पयश्यांच्या उणावाक लागून ह्या वर्गांतल्या लोकांक मान-प्रतिश्ठा आसना आनी अधिकारूय तांच्या वांट्याक येवप भोव कठीण. ह्या वर्गाचें चित्रण तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांत आयलां. देखीक: *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत रवीची खबर आयल्या. रवी आनी

चिमुलकाराची धूव एकामेकाच्या मोगांत आसतात. रवी गरीब आनी सकयले जातीचो जाल्ल्या कारणान चिमुलकार तांच्या मोगाक आडखळ हाडून ताका हिणसायतना विचारता, "शिलाचो बापूय खूब भाटांचो धनी म्हूण तूं जाणा? ... शिलाचो बापूय एक लाखपती म्हूण तूं जाणा?... शिला ब्राह्मीण कुटुंबांतलें म्हूण तूं जाणा?" (4/152-153). लेखकान अशे तरेन सकयल्या वर्गाची खबर करतना रोजीनाचें कुटुंब (*आमी सगळे एक*), जाकीचें कुटुंब (*झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय*), ज्योकींचें कुटुंब (*एक्सिडण्ट*) हीं कुटुंबां चित्रायल्यांत.

कार्ल मार्क्स हे नामनेचे समाज अभ्यासक मुखेलपणान 'गरीब' आनी 'गिरेस्त' अशें वर्गीकरण करतात. जमीनदार वा भाटकार आनी मुंडकार अशे वांटे ते घालतात. फुडें ते 'भांडवलदार' आनी 'कामदार' ह्या नांवांनी ह्याच वर्गांची वांटणी करतात (Rao 733). ह्या संदर्भांत कार्ल मार्क्साचो प्रभाव कार्दोज हांच्या तियात्रांचेर दिसता. तांच्या तियात्रांनी आशिल्ल्यांचे (Haves) आनी नाशिल्ल्यांचे (Have-nots) संघर्श वेगवेगळ्या रुपांनी आयल्यात.

लेखकाच्या तियात्रांनी आसपाविल्ल्या आशिल्ल्यांची-नाशिल्ल्यांची वळेरी अशी: कोरदेरो-शर्ली (नोवी दिशा), चिमुलकार-रवी (*आमी सगळे एक*), रापोजो-मायकल (*आमी सगळे एक*), रापोजो-फॅलिक्स (*समाज सेवा*), डिक्रूज-फ्रॅन्को (*आयचो समाज*) आदी. जमीनदार वा भाटकार, प्रसिद्द व्यक्ती, राजकारणी, भांडवलदार, आदवोगाद, दोतोर आदी व्यक्ती उंचल्या वर्गांत आसपावतात.

राजकारणी, व्यापारी आनी उद्देगपती हांचो आशिल्ल्यां मदीं आसपाव आसता. राजकी आनी अर्थीक कारणाक लागून तांकां समाजांत मान आनी प्रतिश्ठा मेळटा. मान-प्रतिश्ठा आनी तेच भाशेन अधिकार आशिल्लीं मनशां नाशिल्ल्यांचो तिरस्कार करतना

दिसतात. हो नाशिल्लो वर्ग आशिल्ल्यां कडल्यान तिरस्कार अणभवता अशी परिस्थिती आसली जाल्यारूय नाशिल्लो वर्ग विरोध उकतावपी, संघर्श करपी आनी जैत चाखपी कसो लेखकान दाखयला. देखीक: *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत शर्ली आपली प्रमाणीकपणाची चाल वापरून तीन फावटीं जिखून आयिल्ल्या मंत्री कोरदेरोक हारयता. *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत गरिबींत जगतलो मायकल वेंचणुकेंत गिरेस्त मंत्री रापोजाक हारयता. *'समाज सेवा'* ह्या तियात्रांत फॅलिक्स एक गरीब तरणाटो पूण प्रमाणीकपणान समाजाची सेवा करून रापोजाक जो आदलो मंत्री आसलो ताका वेंचणुकेक टक्कर दिवन जैत जोडटा. *'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत फ्रॅन्कोय तसोच एक गरीब तरणाटो गर्वान भरिल्या गिरेस्त डिक्रूजाक बंदखणींत पावयता.

भांडवलदार आनी कामदार वर्ग हांची संघर्शमय परिस्थिती अशे अवस्थेंत पावतली आनी तातूंतल्यान सकयलो वर्ग क्रांतीचें वारें उबयतलो अशी कार्ल मार्क्सान भविश्यवाणी केल्ली ती तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी आशिल्ल्यां-नाशिल्ल्यां विशींची क्रांती फळाक आयल्या तें थावें जाता (Rao 736).

आदीं उल्लेख केल्ल्यो सकयल्या-वयल्या वर्गाच्या संघर्शाच्यो देखी नियाळांत घेतल्यो जाल्यार उंचेलो वर्ग हारता आनी सकयलो वर्ग जिखता तें स्पश्ट जाता. हे वरवीं लेखकाले तियात्र अशे तरेचो समाज बांदपाक सोदतात: ज्या समाजांत गरीब-गिरेस्त आनी जाती-कातींचो भेद-भाव आसचो ना, सतावपी आनी पिडपी दिसचे नात, उंचेलो आनी सकयलो वर्ग दिसचो ना. एका व्यक्ती कडेन कांय एक आसचें ना पूण सगळ्यां कडेन सगळें आसतलें. हे वरवीं सगळ्यांक एकसारकी मान-प्रतिश्ठा आनी अधिकार आसतली. हो अशे तरेचो समाज तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांत कार्ल मार्क्साच्या साम्यवादी (communist) विचाराक स्पर्श करता.

तोमाझिन्यु कार्दोज नाशिल्ल्यांचीं पात्रां चित्रायतना गरीब, अधिकारा विणें, मान-प्रतिश्ठा नाशिल्लीं अश्या स्वरुपाचीं चित्रायतात हें खरें आसलें जाल्यारूय ह्या पात्रांक सतान, प्रमाणीकपणान आनी नितीन भरिल्लीं कशीं दाखयतात. हांगा लेखक गरिबीचें जैत, सताचें जैत, प्रमाणीकपणाचें जैत, नितीचें जैत... अशे तरेचीं जैतां दाखोवन गरिबीचें आनी निती-मुल्यांचें जैत जाता आनी निती-मुल्यां मुखार पयशे कमी पडटात तें उजवाडाक हाडटा. वास्तवीक समाजांत गरिबीक आनी निती-मुल्यांक जागो ना तें पळोवन आनी नियाळून लेखक कल्पना शक्तीचो वापर करून गरिबीक आनी निती-मुल्यांक म्हत्व दिवपाचो प्रयत्न करता. ही अशे तरेची प्रक्रिया आदर्शवादी विचारांक स्पर्श करता.

### 7.3 पर्यटकां संदर्भांत

1983 वर्सा आदीं गोंयांत विदेशी पर्यटक येताले पूण 1983 वर्सा संवसारांतले राजकी फुडारी कॉमनवॅल्थ हॅड्स ऑफ गव्हर्नमेण्ट मिटींग (च्योगम) ह्या निमतान गोंयांत पावले. राजकी फुडाऱ्यां मदली मागरेट थॅच्यर ब्रिटनाची प्रधानमंत्री गोंयांत पावली. तिणें गोंयांत आशिल्ले ब्रिटीश सैनिकांचे सिमितेरीक भेट दिली. तेन्ना साकून ब्रिटनांतले पर्यटक गोंयचे भुंयेर अदीक संख्येन पांय दवरपाक पावले. ते पर्यटक कशे गोंयांत आयले आनी तांच्या येण्या वरवीं गोंयाक अर्थीक लाव फावो जावंक लागलो अशें 'इट्सगोवा' ह्या नेमाळ्याचेर 5 मार्च 2016 ह्या दिसा 'Did the British PM's visit to Goa in 1983 give boost to tourism?' ह्या लेखांत वाचूंक मेळटा. फकत ब्रिटनांतले पर्यटक गोंयांत पावले अशें न्हय, कॉमनवॅल्थ हेड्स ऑफ गव्हर्नमेण्ट मिटींग ह्या मेळाव्याक लागून जगभरचो लोक गोंयचे सोबितायेचो अणभव घेवपाक येवंक लागलो. तेन्ना साकून भारतीय तशेच विदेशी पर्यटक गोंयांत येवपाक नेट वाडलो (Did the British PM's visit). पर्यटकांची रावपाची वेवस्था करपा खातीर होटॅलां बांदपाचो

वावर व्हड गतीन सुरू जालो. भांडवलदारांनी आपलो दुडू ह्या क्षेत्रांत घालो. होटॅलां बांदपाचो वावर चालू आसतनाय पर्यटक येताले. त्या पर्यटकांक रावपा खातीर वेळेर आशिल्लीं घरां वापरांत आयलीं. *'म्होंवाळ वीख'* हो तियात्र खास करून तेन्नाचे परिस्थितीचेर उजवाड घालता. ह्या तियात्रांत गोंयांतलो 1989 चे आदींचो काळ दिसता. दर्या वेळेर आशिल्ल्या कुटुंबांची काणी आनी संबंदीत कुटुंबांचें जीवन विस्कावन दाखोवपाचो प्रयत्न ह्या तियात्रांत जाला.

तोमाझिन्यु कार्दोजान *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांत गोंयांतल्या दर्या लागसार रावपी एका मध्यम वर्गी कुटुंबाची काणी विणल्या. ह्या कुटुंबांतलो बापूय फ्रांन्सीस कुवेटाक आसता जाल्यार आवय माग्दू आपल्या दोगां तरणाटे पिरायेर पाविल्ल्या भुरग्यां बराबर घरांत रावता. माग्दू पर्यटकांक आपल्या घरांत दवरपाच्या हेतान आपूण आपल्या भुरग्यां बराबर एके खोंपींत रावपाक तयार जाता. हें अशें करपा फाटलें कारण म्हणल्यार पर्यटकांक आपल्या घरांत दवरून तिका अर्थीक वटेन फायदो आसता. एका दिसाक एके कुडी फाटल्यान माग्दूक 250 रुपया भाडें मेळप आनी ते भायर जेवण रांदून दिवपाचे आनीक पयशे म्हणल्यार तिका सोर्त फुटिल्ले भाशेन दिसता. तरी पूण तिणें हें सुरू केले उपरांत पर्यटकांची वायट वागणूक पळोवन तिच्या मनांत दोन तरांचे आवाज आयकूंक येतात:

**आवाज I :** माग्दू, आतां कितें चिंताय? त्या टुवरिश्टांक घरांत दवरून तुवें निकतीच काडी पेटयल्या. तो उजो आतां व्हड जातोलो आनी तुका, तुज्या भुरग्यांक आनी तुजे फामिलीक लासून उडोयतलो.

**आवाज II :** माग्दू भियेनाकाय. काळजाक धीर घे. दुडू आसल्यार केदोय उजो पालोवं येता. टुवरिश्टांक घरांत दवर आनी दुडू जोड, दुडू...

**आवाज I :** माग्दू आयजूच पळे कितें जालें तें. तुजो एकलोच पूत दिपकावलोलो आसा. तुवें जायते दुडू कमायले आनी भुरग्यांचो फुडार पिड्यार केलोय जाल्यार कसलो फायदो? त्या खातीर त्या टुवरिश्टांक घरांतलीं भायर काड.

**आवाज II :** माग्दू तूं फटोवतेलीं. टुवरिश्टांचे आयज दुडू मेळटा ते फाल्यां मेळचेना. एकाच रुमांत कित्याक? दुसऱ्याय रुमांनी टुवरिश्टांक दवर आनी हजारांनी, लाखांनी दुडू जोड. दुडवांनी हो संवसार जोडूं येता. तूं जोडून दाखोय. आयज समाजाक जाय फकत दुडू, फकत दुडू... (1/16).

माग्दूक दोन आवाज आयकूंक येतात. पयलो आवाज माग्दूक पयश्यां परस भुरगीं चड म्हत्वाचीं म्हणून सांगता जाल्यार दुसरो आवाज भुरग्यां परस पयशे अदीक म्हत्वाचे म्हणपाचें स्पश्ट करता. माग्दूक कितें करचें तें कांयच समजना. कांय वेळ चिंतन-मनन करून माग्दूक पयशे खूब म्हत्वाचे कशे दिसतात आनी हाका लागून ती दुसरो आवाज सांगता तें मान्य करता.

माग्दूगेर पर्यटकांचो आंकडो वाडत वता. जोड खूब वाडोवची, खूब पयशे करचे अशीं सपनां माग्दू मनांत रंगयता. खरें म्हणल्यार हें कुटुंब घरकाराचे येणावळीचेर अवलंबून आशिल्लें. धंद्या वरवीं माग्दूची अर्थीक बाजू बळिश्ट जाता हें खरें आसलें जाल्यारूय तिचीं भुरगीं मात पर्यटकांचे वायट वागणुकेक बळी पडून वायट मार्गाक लागतात. 'पयश्यांची आशा आनी भुरग्यांची वायट दशा' असली परिस्थिती निर्माण जावंक पावता.

तियात्राचें कथानक जशें फुडें वता तशी माग्दूची मध्यम वर्गी अर्थीक परिस्थिती उच्च वर्गी जावपाचीं पावलां मारता. माग्दू, दर्या वेळेर धंदो करतल्यांचें समाज जीवन पडबिंबीत करता. माग्दूची आशा सोंपून सोंपना; तिका अदीक-अदीक पयशे मेळोवंचे

अशें दिसता. पयलीं ती सुवार्थी आसता, उपरांत तिची आशा तिका अती सुवार्थी करता. तिच्या सारक्या स्वभावाच्या मनशांक ती एक हारसो जावपाक पावता. जीं कोण तिचे सारकीं अती सुवार्थी जाल्यांत तांकां हो तियात्र जागृत करता.

ह्या तियात्रांत लेखकान टुव्रिज्म  हें पात्र रंगयलां. गोंयांत पर्यटन वाडचें हे खातीर हें पात्र घरा-घरांनी वचून वा मनशा-मनशाक मेळून पर्यटनाची सकारात्मक बाजू मांडटा. पर्यटण फुलचें आनी आपल्याक भरपूर फायदो जावचो असो ताचो उद्देश आसता. 250 रुपयांतले 50 रुपया टुव्रिज्म  ह्या पात्राक *'कमिशन'* कशे वतात. हे अशे तरेचे येणावळीक लागून तो संतुश्ट आसता. एन्टीटुव्रिज्म  हें पात्र टुवरिज्माक विरोध करता. हो विरोध करपा फाटलो हेतू म्हणल्यार गोंयची अस्मिताय राखप आनी सांबाळप. लेखक टुव्रिज्म  आनी एन्टीटुव्रिज्म  ह्या दोन पात्रां वरवीं समाजांत आशिल्ल्यो दोन तरांच्यो व्यक्ती आमचे नदरेक हाडटा. एके तरेच्या व्यक्तीक फकत आपल्या फायद्याचें पडिल्लें आसता. आपल्याक भरपूर पयशे मेळचे अशें ताका दिसता, ते कशे तरेन मेळटात हाची ताका पर्वा आसना. ह्या पयश्यां वरवीं गोंयचेर कसलो वायट परिणाम जावं येता, हो प्रस्न ताका त्रास दिना. दुसरे  तरेचे व्यक्तीक पयश्यां चें पडिल्लें नासता. ताका पयश्यां परस आपली भूंय चड म्हत्वाची दिसता. ह्या दोनूय तरांच्या व्यक्तीं वरवीं आमी खंयचे व्यक्तीक लागीं आसात ताचेर लेखक विचार करपाक लायता.

## 7.4 घुंवळे वखदांचो वेपार

घुंवळे वखदांचो वेपार समाजाक मान्य ना तरूय तो समाजाचो एक भाग. हो वेपार संवसाराच्या कोनशा-कोनशांनी चलता. हो घुंवळे वखदांचो धंदो अर्थीक परिस्थितीक साबार वटांनी बादता.

*'म्हौंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांतलें पुत्तुस्वामी हें देशी पर्यटकाचें पात्र लेखकान पिंतारलां. हो पुत्तुस्वामी गोंयांत येवपाचें मुखेल कारण म्हणल्यार घुंवळे वखदांचो धंदो. पर्यटक कसो तो माग्दूगेर भाड्याक रावता. हांगा रावून तो आपलो धंदो करता आनी त्या धंद्यांत माग्दूल्या पुताक जॅरीक, भागिदार करता. पयले खेपे जॅरीक तो पांचशीं रुपया दिता आनी दुसरे खेपेक एक हजार रुपया दिवन आपलें काम करपाक धाडटा. जॅरीन फकत एक पार्सल एका मनशाक पावतें करपाचें आसता. ह्या इतल्याश्या कामाक आपल्याक भरपूर पयशे फावो जातात देखून जॅरी ह्या वावरांत खूब खुशाल आसता. सुरवातीक जॅरीक हो वेवसाय बेकायदेशीर हाची जाणविकाय आसना; मागीर ताका सगळें समजता तरी पूण आपल्याक भरपूर पयशे मेळटात हें चिंतून तो समाधानी आसता. शेवटाक मात ताच्या हाताक बेडी पडटा.

घुंवळे वखदांचो धंदो करप म्हणल्यार ह्या धंद्यांत वावुरपी मनशांची अर्थीक बाजू बळिश्ट जाता. पुत्तुस्वामी कडेन चरस, गांजा, मारिजुव्हाना आदी घुंवळे वखदां आशिल्ल्याचो उल्लेख मेळटा. हीं घुंवळे वखदां ताचे कडेन कशीं आयल्यांत हाचो संदर्भ बरपावळींत मेळना. एक तर हीं घुंवळे वखदां ताणेंच तयार केल्लीं आसूं येतात वा ताणें आनीक कोणां कडलीं विकतीं घेतल्यांत असो तर्क करूं येता. ताणें विकतीं घेतल्यांत जाल्यार आनीक व्यक्ती ह्या वावरांत भागिदार आसात हाची खात्री जाता. ह्या धंद्या वरवीं ह्याय व्यक्तीक फायदो आसतलोच हें विशीं दुबाव उरना. पुत्तुस्वामी जॅरीक फकत एक पार्सल पावतें करपाक इतले पयशे दिता जाल्यार ताका स्वताक कितलो फायदो आसतलो?

घुंवळे वखदांच्या वेपारांत जायते पयशे मेळटात अशें आसलें जाल्यारूय तो बेकायदेशीर धंदो म्हणून मान्य करचेंच पडटा. हे पयशे जोडचे जोडून ह्या धंद्यांत भागिदार आशिल्ल्यांक बंदखण फावो जावं येता. लेखक हाचे वयल्यान एक संदेश

दिता तो म्हणल्यार घुंवळे वखदांच्या वेपारांत पयशे मेळटात आनी तेच बराबर बंदखण तुजी वाट पळयता. बेकायदेशीरपणान पयशे जोडप आनी बंदखणींत पावप हांचें समीकरण लेखक करता.

*'उडता पंजाब'* (2016) ह्या हिंदी चलचित्रांत घुंवळे वखदांचो विशय अभिषेक चौबेन विस्तारान हाताळ्ळा. कशे तरेन घुंवळे वखदांचो वेपार चलता आनी ह्या घुंवळे वखदांक लागून पंजाबाचेर कसलो दुश्ट परिणाम जाला ताचेर हें चलचित्र उजवाड घालता (चौबेन). ह्या चलचित्रांत जें कितें चित्रीत केल्लें आसा तें तोमाझिन्यु कार्दोजान *'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'* (1986), *'म्होंवाळ वीख'* (1989), आनी *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* (2000) ह्या तियात्रांनी दाखयलां. अभिषेक चौबेक घुंवळे वखदांचो विशय 2016 वर्सा अस्वस्थ करता जाल्यार तोमाझिन्यु कार्दोज हांकां 1986 वर्सा साकून हो विशय हुसक्याचो दिसता. हो हुसको फकत एकेच पावट न्हय पूण तीन फावटीं तरी उक्तो जाला. हाचे वयल्यान ह्या विशया संबंदीं लेखकाली गंभीरताय दिसता. 1986 वर्सा हो विशय तियात्रांत हाडून लेखक समाजाचें प्रबोधन करपाक वावुरलो तेन्ना पर्यटन उद्देग गोंयांत निकतोच सुरू जाल्लो आनी घुंवळे वखदां निकतींच गोंयांत पाविल्लीं. ह्या घुंवळे वखदांचो वायट प्रभाव समाजांत दिसूंक लागिल्लो. लेखकान त्या काळाची गरज वळखून आनी समाजाची परिस्थिती ध्यानांत घेवन हो तियात्र बरयलो. लेखकान परतून 1989 वर्सा होच विशय हाताळ्ळा. 11 वर्सां उपरांत परतून ह्या विशयाची गंभीरताय मतींत धरून 2000 वर्सा *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रा वरवीं लेखकान परतून अस्वस्थताय उकतायली. घुंवळे वखदांचो धंदो अर्थीक परिस्थितीचेर साबार वटांनी परिणाम करता ताचें लेखकाक भान आसा पूण ताका पयश्यां परस समाजाचें हीत चड म्हत्वाचें दिसता हेंच लेखक आपल्या तियात्रांतल्यान उजवाडाक हाडटा.

## 7.5 शिंदळकेचो वेवसाय

मनीस पयशे जोडपाक वेगवेगळ्या तरांचे वेवसाय करता; गरज पडल्यार आपलेच कुडीचो वेवसाय करूंक फाटीं रावना. कुडीचो वेवसाय भोव पुरविल्ल्या काळा साकून चलत आयला. अशें आसलें तरीय समाज ह्या वेवसायाक मान्यताय दिना. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या कांय तियात्रांनी ह्या वेवसायाचें चित्रण आयिल्लें आसा.

गोंयांत कितलींशींच वर्सां मुरगांवच्या 'बायणा' ह्या वाठारांत कुडीचो वा शिंदळकेचो वेवसाय चलतालो हाचो संदर्भ खबरांपत्रांनी मेळटा. हो प्रस्न कोर्टांत गेल्लो आनी शिंदळकेचो वेवसाय बंद करपाचो कोर्टाचो आदेश आयिल्लो. हो वेवसाय आळाबंदी हाडिल्ल्याची खबर 30 जुलय 2004 ह्या दिसा 'Crackdown on a beach' ह्या माथाळ्या खाला रवी शंकर हांणी बरयिल्लो लेख 'फ्रण्टलायन' ह्या राष्ट्रीय नेमाळ्याचेर वाचूंक मेळटा (Shankar). हो अशे तरेचो धंदो 2004 वर्सा पयलीं गोंयांत चलतालो हे विंशींचें वास्तवीक चित्र तोमाझिन्यु कार्दोजान *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांत चित्रारिल्लें आसा. हो तियात्र 1989 वर्सा आदींच्या गोंयच्या काळाची खबर करता. ह्या तियात्रांत शिंदळकेच्या वेवसायाचीं चिन्नां दिसून येतात. पुत्तुस्वामी हें पात्र शिंदळके खातीर दुडू खर्चूंक तयार आसता. पुत्तुस्वामी आपले पासत कॉलेजींत शिकपी एके चलयेचो बंदोबस्त करपा खातीर टुव्रिज्म ह्या पात्राक 500 रुपया दिता. फकत बंदोबस्त करपाक 500 रुपया दिता जाल्यार शिंदळकी करतले चलयेक कितले दुडू मेळटले? अशे तरेचो प्रस्न आंग घेता. ह्या प्रस्नाची जाप सोदतना '*College girls by day, sex workers by night!'* ह्या माथाळ्या खाला 'टायम्स ऑफ इंडिया' ह्या खबरांपत्राचेर 2017 ह्या वर्सा आयिल्लो लेख खूब म्हत्वाचो थारता. ह्या लेखांत ह्या विशया संबंदींची माहिती आसा ती अशी:

कॉलेजींत शिकपी चलयो शिकपाच्या निमतान शिंदळकेच्या वेवसायांत घुसपल्ल्यो आसात. ह्या वेवसायाक लागून तांकां भरपूर पयशे मेळटात. भोग घेवपाक येवपी कमींत कमी 1,500 ते 2000 रुपया दिता. वरा प्रमाणे ही दर थारायिल्ली आसता. अशे तरेन एका दिसाक एके कॉलेजींत शिकपी चलयेच्यान कमींत कमी 6,000 ते 10,000 रुपया जोडूं येता. ह्या पयश्यां वरवीं तीं उंची मालाचे मोबायल घेवप, व्हडल्या कंपनींचे म्हारग कपडे विकते घेवप, खूब म्हारगायेचे मेकअप आदी वस्तू घेवप (College girls by).

ही वयर नोंद केल्या ती म्हायती 2017 ह्या वर्सांतली आसली जाल्यारूय तातूंतली आंकडेवारी ध्यानांत घेवप खूब म्हत्वाचें. 1989च्या काळांत *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रांत ह्या धंद्याक अशेच तरेचें अर्थीक म्हत्व आसलें असो अदमास काडूं येता; कारण पुत्तुस्वामी टुवरिज्माक फकत चलयेचो बंदोबस्त करपाक 500 रुपया दिता जाल्यार भोग घेवपा वेळार तिका अदीक पयशे दिवपाक तयार आसतलो अशी खात्री करूं येता.

ह्या वेवसायाक लागून ह्या वेवसाया कडेन संबंदीत आशिल्ल्यांक अर्थीक लाव जाता. खरें म्हणल्यार असलो धंदो चलोवपांत एक दलाल आसता. हो दलाल भोग घेवपी आनी भोग दिवपी हांचे मदलो सगळो बंदोबस्त करपाक वावुरता. हांगा टुव्रिज्म हो दलालाचो रूपकार. ह्या दलालाक ह्या वावरा वरवीं खूब पयशे मेळटात. एका गिरायका फाटल्यान 500 रुपया फावो जावप म्हणल्यार ताची येणावळ खूब मोटी आसतली असो अदमास काडूं येता. हें टुवरिज्माचें पात्र समाजांत असलो वावर करून पयशे जोडटल्यांचें प्रतिनिधित्व करता.

*'एक्सिडॅन्ट'* ह्या तियात्रांत फातिमा हें पात्र गरजेक सांपडिल्ल्या कारणान आपल्या मना आड वचून शिंदळकेच्या वेवसायांत पावल दवरता. आपल्याक ह्या वेवसायांतल्यान

मेळटल्या पयश्यां वरवीं तें व्हिलचॅराक दसून उरिल्ल्या आपल्या बापायचीं दोन व्हडलीं ऑपरेशनां करता. “गोंयांत बायणांतली शिंदळकी बंद केल्ली तेन्ना सुमार 400 जाणां ह्या वेवसायांत आशिल्ल्यांचो आंकडो मेळटा. ह्या 400 जाणां मदलीं चडशीं बिगर गोंयकारां अशें नोंद जालां. तातूंतलीं आपखोशयेन आयिल्लीं भोव थोडीं जाल्यार चडशीं फटोवन हाडिल्लीं आसलीं” (आदलोच संदर्भ). फातिमा हें गरजेक सांपडू आपखोशयेन ह्या वेवसाया वटेन आयिल्लें पात्र. बापायचे परिस्थितीक लागून दुसरो आनीक कसलोच उपाय ना देखून तें स्वता हो मार्ग आपणायता. आपल्याक थोडे-भोव पयशे मेळचे आनी बापायक आपणें दुयेंत परिस्थितींतलो निवारचो असो हावेस घेवन तें कुडीचो धंदो स्विकारता. लेखक फातिमाचें पात्र उबें करतना जीं कोण कठीण अर्थीक परिस्थितीक लागून असलें जीवन जगपाक पावतात तांचो उगडास करून दिता. फातिमाचे चुरचुरे दिसप हें सभावीक पूण फातिमाचें नैतीक जिवीत समाजाक मान्य ना म्हणून पाद्रीच्या पात्रा वरवीं थावें जाता, “ज्योकीं तुजी धूव कुडीचो धंदो करून दुडू एकठांयता... देवाचे सुमुर्तीचेर आड वचप...? हें सारकें ना... वाट चुकोन पातकी रस्त्यार चलता त्या शेळयांक बरी वाट दाखोवंक म्हजी जाबाबदारी” (4/212). फातिमा ह्या वेवसायांतल्यान जी जोड जोडटा ती बापायच्या दोन व्हडल्या ऑपरेशनां खातीर खर्चिता. हांगा फातिमाचो बापूय ह्या वेवसायांतले जोडीचेर निंबून आशिल्ली व्यक्ती. ऑपरेशनां केले उपरांत दोतोरांक आनी संबंदीत आशिल्ल्यांक दुडवांचो लाब जाता. ह्या वेवसायांत एकलोच पयशे दिवपी (भोग घेवपी) आसता हें खरें पूण ह्या वेवसाया वरवीं साबार जाणांक अर्थीक लाब ताची खात्री करूं येता.

कॉलेजींनी शिकपी चलयो असल्या वेवसायांत आसात ताचे विशीं हो तियात्र समाजाक हारसो दाखोवपाचो प्रयत्न करता पूण तांचे वागणुके आड आवाज काडिल्लो दिसना, पूण फातिमा संबंदीं हो तियात्र आवाज काडटा. फातिमा आपल्याचेर आयिल्ल्या

प्रसंगाक लागून हें करता जाल्यार कॉलेजींत शिकपी चलयो आपल्याक चड मोलाच्यो वस्तू मेळोवच्या हेतान करतात. कॉलेजींत शिकपी चलयांच्या संबंदीं लेखकान ह्या तियात्रांत आवाज उठोवपाक जाय आशिल्लो हें करपाक लेखक कमी पडटा. फातिमा भाशेन अर्थीक परिस्थिती निर्माण जाता तेन्ना कसलो उपाय काडचो हे विशीं ह्या तियात्रांत कांयच मेळना.

## 7.6 स्थलांतराचे परिणाम

*'स्थलांतर'* समाजाची एक गरज कशी जाल्लें आसा. स्थलांतर अनेक कारणांक लागून जावं येता. ह्या कारणां मदलें एक मुखेल कारण म्हणल्यार नोकरी. नोकरेक लागून मनशाची अर्थीक परिस्थिती विकसीत जावपाची शक्यताय आसता. तोमाझिन्यु कार्दोजान *'गोवा.. गोईंग..गॉन?', 'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय', 'हॅलो आंकल', 'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* आदी तियात्रांनी स्थलांतराचो विशय हाताळ्ळा. तांणी चित्रायल्ले गोंयकार कुवेट, दुबाय, मोझांबीक, इंग्लण्ड, आफ्रिका, कॅनडा आदी देशांनी स्थायीक जाल्ले आसात. हे गोंयकार चडशे नोकरेच्या हावेसान स्थायीक जाल्यात. चडश्या प्रमाणांत हे गोंयकार अर्थीक वटेन संतुश्ट आसात जाल्यार कांय फावटीं लाचार जावन घरा परतल्ले दिसतात.

*'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* ह्या तियात्रांत ज्योकीं नांवाचें पात्र आसपावलां. हो ज्योकीं मारी मुंडकान्नीचो पूत. ताका बापूय ना. ताणें भुरगेपणा साकून दुर्बळकायेचो अणभव घेतला. भाटकाराच्या उदारपणाक लागून तो बरें शिक्षण घेवंक पावता. अर्थीक प्रगती करपाक सगळी धडपड करून तो मोझांबीकेक वता. थंय तो एक बरीशी नोकरी मेळयता. हे नोकरेक लागून ताची अर्थीक परिस्थिती सुधारता. थंय रापोजो भाटकार आपले धुवे सांगाता आसता. हो भाटकार जायतीं वर्सां थंय स्थायीक जाल्लो. ताची धूव लुसिया ज्योकीं बराबर काम करता. लुसिया आनी ज्योकीं एका मेकाच्या मोगांत पडून

काजार जातात. भाटकाराचे धुवे कडेन काजार जाले उपरांत भाटकार ज्योकींक भाटां-भेसां आनी गिरेस्तकाय फावो करता. ज्योकीं सोदतालो हरवें पूण ताका भाजिल्लें मेळटा. ज्योकींची अर्थीक परिस्थिती बळिश्ट जाता.

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत फोर्सू नांवाचें पात्र आसा. हो फोर्सू व्हडल्या भावा वांगडा नुस्तें मारपाचो वेवसाय करतालो. हो वेवसाय करून तांचें कुटुंब समाधानी आशिल्लें. फोर्सूच्या काजाराचो खर्च पासून ह्याच वेवसायाच्या आदारान जाल्लो. काजारा उपरांत ताची घरकान्न ताका नुस्त्याच्या वावरा विशीं उणेपणां सांगता. ताची घरकान्न आपल्याक 'खारवी' हो 'टॅग' नाका म्हणून सांगून फ्लॅटांत रावपाक घेवन वेता. आपल्या घरकाराक ती कुवेटाक वचपाक सांगता आनी तो वेताय बी. फोर्सू कुवेटाक काम करता आनी थोडो काळ आपली अर्थीक परिस्थिती ताणपाक पावता. उपरांत ताचेर कसलो तरी प्रसंग येता आनी ताका घरची वाट धरची पडटा. 'आशेक गेल्लो दशेक पावता' असली फोर्सूची परिस्थिती जावंक पावता. ह्याच तियात्रांत जेम्स हें पात्र कुवेटाक आसता. तो सोरो काडटा आसतना सांपडटा. हाका लागून तो बंदखणींत पावता.

गोंय स्वतंत्र जावंचे पयलीं जायते गोंयकार आफ्रिकेक वेताले. कांय लोक पुर्तुगेज वसणुकांनी (colonies) वावर करून दुडू जोडटाले जाल्यार कांय गोंयकार ब्रिटीश राज्य करतल्या वसणुकांनी वेताले आनी संवसार करताले. गोंय स्वतंत्र जाले उपरांत गोंयकार तरणाटे आफ्रिकेच्या देशांनी वचपाचे इल्ले इल्ले उणे जाले. बाहरेन, कुवेट, आबू धाबी, दुबाय, मस्कट, आदी गल्फांतल्या देशांचीं दारां उक्तीं जालीं. वचत तो तरणाटो गोंय सोडून गल्फाक वचूंक लागलो. वयर नोंद केलां ते प्रमाण तोमाझिन्यु कार्दोजान तियात्रांत होच काळ नदरे मुखार दवरून बरपावळ केल्या. तांणी चित्रीत

केल्ले गोंयकार आपली अर्थीक परिस्थिती सुदारपाच्या हेतान पयलीं पुर्तुगेज आनी ब्रिटीश वसणुकांनी आनी उपरांत गल्फांतल्या देशांनी पाविल्ले आसात.

गोंयकार आपली अर्थीक परिस्थिती सुधारपाक परदेशांत वतात जाल्यार बिगर गोंयकार गोंयांत येवन आपली अर्थीक परिस्थिती सुदारतात. गोंय तांचे खातीर परदेश जाल्लो आसा ताचें चित्रण लेखकान आपल्या तियात्रांनी केल्लें आसा. गोंयांत येवन ते कसलोय वावर वा वेवसाय करपाक लजेनात. ह्या तांच्या वावराक लागून खूब पयशे जोडून ते समाधानी आसात ताचें वास्तवीक चित्रण लेखकान पिंतारलां.

### 7.7 सावकारी

मनीस जसो जोडटा तसो मोडटा. मोडप जाले उपरांत जें उरता तें ताची बचत. मनीस कांय फावटीं जोडटा ताचे परस चड मोडपाक सोदता. हें मोडप ताका खूब गरजेचें दिसता. कांय फावटीं ताचेर आयिल्ल्या संकश्टाक लागून वा कसलीय गरज उप्रासल्या देखून ताका हेरां कडेन पयशे मागून घेवचे पडटात वा रीण काडचें पडटा. पयशे रीण म्हणून मागून घेवप ही एक भोव पुर्विल्ली चाल. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी हे संबंदींचे प्रसंग आयिल्ले आसात.

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* हो तियात्र 1986 वर्सा आदल्या काळाचें दर्शन घडयता. ह्या तियात्रांत मोर्तू नांवाचें पात्र आयलां. मोर्तू क्रिस्पीन ह्या पात्राची भांगराची सरपळी घाणाक दवरून ताका 1,500 रुपया दिता हे संबंदीचें चित्रण आयलां. ह्या तियात्रांत बॅंकाचो उल्लेख जाल्लो दिसता. ह्या काळार गोंयांत बॅंको आसून पासून मोर्तूच्या सावकारी वेव्हाराक अदीक म्हत्व आसा हें ह्या तियात्रांत थावें जाता. क्रिस्पीन गरजेक सांपडिल्ली व्यक्ती बॅंकेंत वेचे परस मोर्तू सारके व्यक्ती कडेन वता. लेखक अशे

तरेचें चित्रण करून गोंयच्या समाजांत 1986 वर्सा आदींच्या काळार सावकारी चलताली हाचेर उजवाड घालता.

मोर्तू पयशे दितना दोन अटी घालता. पयले सुवातेर, तूं जितले पयशे मागता ताचे अदीक वालोराची भांगराची वस्त घाणाक दवरची पडटली. दुसरी अट अशी: जे दुडू घेतिल्ले आसात ते तीन म्हयन्यां भितर पावते करिना जाल्यार जी भांगराची वस्त घाणाक दवरल्या ती आपल्याक उरतली.  ह्यो दोनूय अटी ध्यानांत घेवन पयशे दिवपी (मोर्तू) आनी पयशे घेवपी (क्रिस्पीन) हांची परिस्थिती नियाळप गरजेचें.

कोण एकलो सावकाराक नेमिल्ल्या वेळा भितर पयशे परत दीत जाल्यार सावकार घाणाक दवरिल्ली वस्त परत दितालो. हें अशें जालें जाल्यार पयशे दिवप्याक कसलो फायदो आसा? ह्या प्रस्नाची जाप मेळना. खरें म्हणल्यार कळंतर आसपाक जाय आशिल्लें. कळंतराचो उल्लेख ह्या तियात्रांत केल्लो दिसना.

क्रिस्पीनान आपूण परतून दुबाय वचूंक तिकेट काडच्या निमतान 1,500 रुपया घेतिल्ले. तीन म्हयने गेले तरी पूण ताचें दुबाय वचपाचें जायच ना आनी तें मोर्तूचे पयशे दिवंक पावना. अटी प्रमाण मोर्तू सरपळेचो धनी जाता. पयशे घेवपी हाका पयशे दिवप्या कडल्यान 1,500 रुपया मेळटात जाल्यारूय ताची अदीक वालोराची भांगराची सरपळी पयशे दितल्या कडेन पावून तो ते वस्तुचो सहजपणीं धनी जाता.  लेखक ही परिस्थिती चित्रीत करतना तेन्नाच्या काळार जे पयशे दिवपी आसले तांचे वागणुकेचेर उजवाड घालता. मोर्तू हें पात्र समाजांत आशिल्ल्या सावकाराचें प्रतिनिधित्व करता.

### 7.8  लांच दिवप-घेवप

मनीस आपूण जें येवजिता तें जावचें म्हूण यत्न करूंक फाटी रावना. आपली येवजण फाटी पडल्यार ताका उणेपण भोगता. हाका लागून मनीस आपलें काम करून वा

सादोवन घेवपाक कांय फावटीं वांकडे आनी अडेचे उपाय काडटा. आपलें काम जावपाक लागून संबंदीत मनशांक तो लांच दिवपाक फाटी रावना.  कशेय तरेन आपलें काम जावन पडचें हो ताचो मुखेल हुसको आसता. तोमाझिन्यु कार्दोजान अशे तरेची प्रक्रिया  आपल्या तियात्रांनी उजवाडाक हाडल्या.

### 7.8.1  ब्लॅकमेल

मनीस कांय फावटीं अशी एक वायट करणी आदारता आनी ही करणी आदारता तेन्ना दुसरो कोण एक मनीस गुप्तीं वा सहजपणान हें पळयता. तेन्ना ह्या दुसऱ्या मनशाच्यान वायट करतल्याक ब्लॅकमेल करूं येता. ब्लॅकमेल करपी आपल्याक पयशे वा हेर कितेंय मेळोवन घेवंक फाटी रावना. तोमाझिन्यु कार्दोजान अशे तरेचो मनीस *‘आयचो समाज’* ह्या तियात्रांत चित्रीत केला.

*‘आयचो समाज’* ह्या तियात्रांत डिक्रूज नांवाचें पात्र लेखकान पिंतारलां. डिक्रूज फ्लोरा नांवाचे चलये कडेन मोगाचो खेळ खेळून तिका आवयपणाच्या भेसार पावयता आनी शेवटाक ती चली आपल्याक आडखळ जाता देखून फार सोडून तिचो खून करता. ही दारूण करणी आदारतना रुदोल्फ डिक्रूजाक पळयता. रुदोल्फ गुपीत फोडपाची भिरांत घालून डिक्रूजाक साबार फावटीं ब्लॅकमेल करता.  रुदोल्फ डिक्रूजाक पयले पावट 5,000 रुपया दिवंक लायता,  फुडें मागीर रुदोल्फ एक लाख मागता तेय तो दिता. डिक्रूज हो एक उच्च वर्गी जाल्यार रुदोल्फ हो डिक्रूजाक ब्लॅकमेल करून ताच्या पयश्यांचेर जगपी.

ही घडणूक समाजांतल्या दोन तरांच्या मनशांचीं रुपां दाखयता. एकलो ब्लॅकमेल करपी आनी दुसरो ब्लॅकमेल करून घेवपी.  पयलो मनीस आपले वायट करणेक लागून समाजा मुखार पापी थारता आनी दुसरो मनीस दुसऱ्यांच्या पापाचें भांडवल करून लाव

मेळोवन घेता. खरें म्हणल्यार, हांगा दिवपी आनी घेवपी हे दोनूय मनीस कायद्याचे आनी नैतीकतायेचे नेम मोडटात तें ह्या तियात्रांत दिसता. हो तियात्र ब्लॅकमेल करप आनी करून घेवप ही समाजाची वायट चाल उजवाडाक हाडून समाजाक हारसो दाखोवपाचो प्रयत्न करता.

समाजांत कांय मनीस अशे आसतात जे 'घेवपी' जावन दुसऱ्यांच्या पयश्यांचेर आपलें पुराय जीवन जगपाक सोदतात. 'दिवपी' जितलो गिरेस्त आसता वा गिरेस्त जायत वेता तितली 'घेवपी' हाची मागणी वाडत वेता. दुसऱ्याक ब्लॅकमेल करून आपलें सादोवन घेतात तांचें चित्र ह्या तियात्रांत पडबिंबीत जालां.

### 7.8.2 पयशेकारांचो राजकारणाचेर प्रभाव

पयशे आशिल्ल्यांच्या हातांत अधिकार आसता. पयश्यां वरवीं ह्या मनशांच्यान दुसऱ्या मनशांक आपल्या हाताच्या बोटांचेर नाचोवंक शकतात. आपलीं कामां सादोवपाक ते पयश्यांचो वापर आनी गैरवापर करतात. हे पयशेकार आपले पयशे जेन्ना राजकारणांत रकयतात तेन्ना तांकां ताचो फायदो आसताच. हे संबंदीं दोन देखींची ही चिकित्सा:

**देख 1:** *'समाज सेवा'* ह्या तियात्रांत फॅलिक्साचें पात्र लेखकान चित्रायलां. हो फॅलिक्स वेंचणुकेक उबो रावून रापोजो ह्या भ्रश्टाचारी उमेदवाराक टक्कर दिवपाचो आसता. अशा वेळार रेमण्ड नांवाचो वेपारी फॅलिक्साक मेळपाक येता. रेमण्ड फॅलिक्साक एक ब्रिफकेस दिता, जातूंत ताचे खातीर देड हजार चौखण मिटर जमनीचें दानपत्र आनी चार लाख रुपया रक्कम आसता. हें सगळें दिवन तो फॅलिक्साक उमेदवारी फाटी घेवपाचो प्रस्ताव मांडटा. रापोजो आदलो मंत्री आशिल्ल्यान रेमण्डाचें आनी रापोजाचें दिवप-घेवप जातालें. हें दिवप-घेवप चालू उरतलें जाल्यार रापोजो वेंचणूक जिखपाक जाय

आशिल्लो आनी रापोजो वेंचणूक जिखतलो जाल्यार फॅलिक्सान उमेदवारी फाटी घेवप खूब म्हत्वाचें आशिल्लें.

फॅलिक्स हो एक गरीब तरणाटो. ताका रावपाक पासून सारकें घर आसना. असले परिस्थीतींत फॅलिक्सा मुखार देड हजार चौखण मिटर जमीन आनी चार लाख रुपया म्हणल्यार व्हड देणगी. ही देणगी ताणें स्विकारप म्हणल्यार ताची गरिबी ना जावप. ताची गरिबी पयस जावप म्हणल्यार लोकां मदीं ताचो दर्जो वाडप. अशा वेळार फॅलिक्साक आपले गरिबी परस समाजाचें हीत म्हत्वाचें दिसता. आपल्या दर्ज्या परस ताका लोकप्रतिनिधीचो दर्जो मोलादीक दिसता. भ्रश्ट देणगे परस लोकान आपल्याचेर विस्वास दवरला तो ताका खूब व्हड दिसता. *'कांटेच कांटे'* (1980) ह्या तियात्रांत विनोद हें अशेच फॅलिक्सा सारकें प्रमाणीक पात्र लेखकान पिंतारलां. 1990 आदींच्या काळांत समाजांत अशे तरेचे प्रमाणीक मनीस आशिल्ल्याची खबर हीं पात्रां उजवाडाक हाडटात. ह्या प्रमाणीक मनशांक आपल्या कल्याणा परस समाजाचें कल्याण जावप खूब म्हत्वाचें दिसता. हे मनीस आपल्याक कितें मेळटलें हाचे परस समाजाक कितें फावतलें हाचेर अदीक लक्ष दवरतात. आपल्याक दुडवांची देणगी मेळचे परस ती समाजाक मेळप म्हणल्यार समाजाचो लाब जावप अशे तरेचो परहीतनिश्ठ (altruistic) विचार ह्या तियात्रांतल्यान व्यक्त जाता. हे तियात्र फॅलिक्स आनी विनोद ह्या पात्रां वरवीं असल्या मनशांची तुस्त-तोखणाय करून समाजाक असले प्रमाणीक मनीस जाय म्हणून घोशीत करतात. समाजांत जे कोण भ्रश्ट स्वभावाचे आसात ते पयशे वा देगणी स्विकारतात तांकां आपले भितर लज करून दिवपाचो प्रयत्न ह्या तियात्रांनी जाल्लो आसा.

देख 2: *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत रुदोल्फ नांवाचें पात्र आयलां. हो रुदोल्फ एक मिनेर. वेंचणुके वेळार तो कोरदेरो, जो आदीं मंत्री आसलो, ताच्या म्हऱ्यांत दिसता. कोरदेरोक

तो दोन क्रूट रुपया दिता. होच रुदोल्फ रोखडोच कोरदेरो आड उमेदवार आशिल्ल्या मार्गारिदा म्हऱ्यांत दिसता; तिका एक क्रूट रुपया दिता.

*'नोवी दिशा'* हो तियात्र 2012 वर्सा आदींचो काळ चित्रीत करता. ह्या काळार गोंयांत मिनाचो वेवसाय खूब वाडिल्लो. पुराय भारताची मिनाची निर्गत हिसबांत घेतली जाल्यार गोंय 50% निर्गत करतालें. मिनाचो धंदो गोंयचे अर्थ वेवस्थेचो प्रमूख घटक जावपाक पाविल्लो. सुमार 1,000 क्रूट वर्सुकी येणावळ येताली (Talule and Naik). ह्याच धंद्याक लागून गोंयची अर्थ वेवस्था सुधारिल्ली. मिनेरां कडेन हिसबा भायर येणावळ येताली. हे येणावळीक लागून तांचो दर्जो वाडूंक पाविल्ल्यान अर्थीक सत्ता तांच्या हातांत पाविल्ली. ह्याच धंद्याक लागू जावपी साबार कायदे  आशिल्ले. कांय फावटीं ह्या कायद्यां कडेन आडनदर केल्यार मिनेरांक खूब फायदो जावंक पावतालो अशा वेळार संबंदींत राजकी फुडारी कायदे मोडून कामां करून घेवपाक उपेगाक पडटाले. ह्या बेकायदेशीरपणान  केल्ल्या कामांक लागून राजकी फुडाऱ्यांक गरजे वेळार व्हड प्रमाणांत दुडू मेळटालो. हे देखींत असल्याच एका प्रसंगाची लेखकान खबर केल्ली आसा. हांगा सगळे मेळून 3 क्रुटांची खबर आयिल्ली आसा. मिनेर हे पयशे दितना रोख दिता. हे रोख पयशे अशे तरेन दिवप म्हणल्यार ते हिसबांत दाखोवपाक मेळनात, हाका लागून हे पयशे काळ्या पयश्यांत मोडटात. हे तरेचे प्रक्रियेक लागून पयशे दिवपी आनी घेवपी भ्रश्टाचारी थारतात. हें इतल्यारूच सोंपना. फुडें हे पयशे घेवन मतदारांनी आपल्याक मतां दिवंचीं ह्या हेतान राजकी उमेदवार तांचे मेरेन पावतात. हाका लागून हे भ्रश्टाचाराचे सांखळेंत मतदारूय घुसपून उरतात. अशेच तरेचें वास्तवीक चित्रण लेखकाल्या तियात्रांनी आयलां. गोंयच्या समाजांत घडटल्या भ्रश्टाचाराची जाणविकाय आसा. ह्या वायटाचो नाश जावंचो हो हुसको  तांच्या तियात्रांतल्यान दिसता.

*'समाज सेवा'* हो तियात्र 1990 वर्सा आदींचो काळ जाल्यार *'नोवी दिशा'* हो तियात्र 2012 वर्सा आदींच्या  काळाचें दर्शन घडयता. ह्या दोनूय तियात्रां मजगतीं लागीं-लागीं 22 वर्सांचें अंतर आसा. ह्या 22 वर्सां मजगतीं जो अर्थीक बदल जाला ताची नोंद मेळटा. 1990 च्या अदमासाक वेपारी वेंचणुके वेळार राजकी उमेदवाराक देड हजार चौखण मिटर जमीन दान म्हूण आनी चार लाख रुपया रक्कम दितात. जमनीची दर आनी चार लाख रुपया हें सगळें हिसबांत घेतलें जाल्यार सुमार 10 लाख रुपया अशी रक्कम जावं येता. 22 वर्सां उपरांत मिनेर सगळे मेळून 3  क्रूट राजकी उमेदवारांक दितना दिसतात. मनीस जितलें जोडटा तितलीच ताची मोडपाची क्षमताय वाडटा. ह्या 22 वर्सांनी पयशे जोडपाची तांक आनी पयशे दिवपाची क्षमताय वाडिल्ली आसा तें थावें जाता.

राजकी वेंचणूक लागीं-लागीं पावता तशी राजकी उमेदवाराक पयश्यांची गरज लागता. राजकी उमेदवारा कडेन जितले पयशे आसतात तितलोच तो धास्ती विणें आसता. पयश्यांनी मतदारांक विकते घेवपाचो प्रयत्न चालू उरता वा कांय फावटीं आपले आड आशिल्ल्या उमेदवाराक उमेदवारी फाटी घेवंचे खातीर अर्थीक हांयस दाखोवप जाता. अशा वेळार उद्देगपती वा व्यापाऱ्यांचो आलाशिरो खूब म्हत्वाचो आसता. उद्देगपती वेंचणूक लडोवपाक वा उमेदवारी फाटी घेवपाक राजकी उमेदवारांक प्रचंड रक्कम दितात. आदावा विणें कोणूच शिदी फोडिना. राजकी उमेदवार जिखून येवचो आनी ताणें मागीर फुडाराक ह्या उद्देगपतीच्या धंद्याक कायद्याचो आशिर्वाद दिवंचो, असो रक्कम दिवपा फाटल्यान उद्देगपतीचो उद्देश आसता. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी असल्या भ्रश्टाचारी अर्थीक वेव्हाराचें चित्रण जालां.

### 7.8.3 नोकरी-विकरी

आतांच्या काळार शिक्षण घेतिल्ल्यांचो आंकडो वाडत आसा. हे परिस्थितीक लागून शिकप केले उपरांत नोकरी मेळोवप ही एक कठीण गजाल जाल्या. एकेच सरकारी नोकरे खातीर हजारा अदीक अर्ज येतात. संबंदीत राजकी फुडारी ती नोकरी कोणाक दिवंची हें थारायता. नोकरेक हिसपा भायर मागणी आशिल्ल्या कारणान अर्ज करपी आपल्याक नोकरी मेळोवन घेवचे खातीर अडेचो उपाय काडून नोकरी विकती घेवपाक फुडें सरतात. अशा वेळार संबंदीत राजकी फुडारी नोकरी विकपाची दर थारायता. हे संबंदीं ह्यो देखी:

**देख 1.** *'सांखळ्यो'* तियात्रांत ब्रागांजा हें सुटके झुजाऱ्याचें पात्र लेखकान चितारलां. ब्रागांजाक गोंया विशीं कितेंय वायट आयकूंक आयल्यार सहन जायना. मागीर तो तें वायट निटायेर घालपाचो प्रयत्न करतालो. कोन्सूचीं तरणाटे पिरायेर पाविल्लीं भुरगीं जॉनी आनी मारिया ब्रागांजाक नोकरी-विकरी जाता ते विशीं सांगतात: प्युनाच्या जॉबाक पन्नास हजार रुपया... क्लार्काचे सिर्विसेक 2 लाख रुपया... ज्युनियर इंजिनियराचे नोकरेक 10 लाख रुपया... पुलीस सब इंस्पेक्टराच्या पोस्टाक 20 लाख रुपया...(2/169).

**देख 2.** *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रांत शॉन पिएक विचारता सरकारी नोकरी-विकरी करचे खातीर कितले दुडू घेतात? तेन्ना पिए जाप दिता, "बाबा ताका मेनू कार्ड आसलें. तें मेनू कार्ड घेवनूच हांव आयलां. पिवनाच्या जॉबाक 3 लाख, क्लार्काचे सिर्विसेक 5 लाख, डिरेक्टराच्या जॉबाक 50 लाख... पुलीस डिपार्टमेंटान रेट मातशी कडक आसली.

हवालदाराची सिर्वीस दिवपाक 6 लाख, सब इंस्पेक्टर 3 लाख, इंस्पेक्टर 60 लाख...” (3/194-195).

*सांखळ्यो'* हो तियात्र 1998 वर्सा आदींच्या काळाचें जाल्यार *'नोवी दिशा'* हो तियात्र 2012 वर्सा आदींच्या काळाचें दर्शन घडयतात. हे दोनूय तियात्र वेगवेगळया काळाचें दर्शन घडयतात. *'सांखळ्यो'* आनी *'नोवी दिशा'* ह्या तियात्रां मजगतीं लागीं-लागीं 14 वर्सांचे अंतर आसा. ह्या 14 वर्सां भितर नोकरी-विकरेची दर आसा ती ध्यानांत घेतली जाल्यार तातूंत प्रचंड अर्थीक बदल दिसून येता. प्युनाची नोकरी हिसबांत घेतली जाल्यार 1998 वर्सा 50 हजार रुपया आसले ते 2012 वर्सा 3 लाख रुपया जावंक पावतात. 14 वर्सां भितर पांच पटींनी वाड जाल्या तें थावें जाता. हेर नोकऱ्यां संबंदींय वाड जाल्या ती दिसता. 14 वर्सां भितर अर्थीक नदरेन कितल्या प्रमाणांत बदल जाला ताचें चित्रण लेखकाल्या तियात्रांत आयलां.

नोकरी मेळप म्हणल्यार मनशाची अर्थीक परिस्थिती सुधारप पूण हीच नोकरी ताका विकती घेवंची पडली जाल्यार ताची अर्थीक परिस्थिती कशी सुधारू येता? वयल्यो दोन देखी अशे तरेचो प्रस्न नियाळपाक लायता.

समाजांत आशिल्ली भ्रश्टाचारी वागणूक लेखक आपल्या तियात्राच्या माध्यमांतल्यान दाखोवन दितना समाजांत आशिल्लें वायट प्रेक्षकां मेरेन व्हरपाचो प्रयत्न करता. हें वायट सोंपोंवंक *'सांखळ्यो'* तियात्रांत ब्रागांजा ह्या सुटके झुजाऱ्याचें पात्र चित्रीत जाल्लें आसा.

### 7.8.4 स्मग्लींग: चोरयां वेव्हार

खंयचीय एक थारावीक वस्त एका वाठारांत साकून दुसऱ्या वाठारांत व्हरपाक-हाडपाक बंदी आसता वा संबंदीत अधिकाऱ्यांची परवानगी घेवंची पडटा. त्या त्या वाठाराचे

शिमेर असले वस्तूचो सोद जाता. तसली वस्त मेळ्ळी जाल्यार कारवाय जाता. अशी परिस्थिती आसतना पासून थारावीक वस्त एका वाठारांत साकून दुसऱ्या वाठारांत संबंदीत अधिकाऱ्यांची परवानगी नासतना व्हरप जाता. हे असले प्रक्रियेक *'स्मग्लींग'* म्हणटात. तोमाझिन्यु कार्दोजान अशे तरेच्या स्मग्लिंगाचो विशय *'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत हाताळ्ळा.

*'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत डिक्रूज नांवाचें पात्र लेखकान चित्रायलां. हें पात्र समाजांत शूभ- चिंतक कशें दिसता पूण तें पात्र एक व्हड स्मग्लर आसता. लोकाक तो समाजाचो शूभ-चिंतक दिसता म्हणून गरीब लोक ताका *'पुअर पिपल्स वॅल्फॅर असोशिएशन'* हाचो अध्क्षय निवडून हाडटात. गरिबांचे नदरे मुखार तो मान आशिल्लो मनीस पूण ताच्या काळजांत गरिबां खातीर मात पासून जागो आसना अशे तरेचो तो प्राणी.

समाजांत दोन तरांनी पयशे जोडपी मनीस मेळटात. एकलो प्रमाणीकपणान वावर करून पयशे कमायता जाल्यार  दुसरो फटिंगपणां करून बोल्सां भरता. जो मनीस प्रमाणीकपणाची वाट धरता ताका गिरेस्त जावपाक सोंपें आसना पूण जो फटींगपणाची वाट चलता ताका मात गिरेस्त जावपाक आडखळ लागना. डिक्रूज हो फटींगपणाची वाट चलून गिरेस्त जाल्ल्याचो उल्लेख लेखक करता. डिक्रूजा सारकेले मनीस समाजांत नदरेक पडटात तें दाखोवपाचो लेखकान यत्न केला. असल्या गिरेस्त मनशाक समाजांत मान आसता अशें चित्रीत केलां. खरेपणीं ताचें जीवन ढोंगीपणान भरिल्लें आसता; पूण *'हतयाचे दाखोवंचे दांत वेगळे आनी खावंचे दांत वेगळे'* हे ओपारी प्रमाण डिक्रूज ह्या पात्राचें जीवन अशें लेखक दाखयता. गरीब लोकांक आपूण प्रमाणीक मनीस म्हणून दाखयता पूण भितरल्यान सगळ्या तरांच्या वायटान भरिल्लो आसता.

म्हापशें शारांत रॉकाची गाडी पुलीस, चवकशी करच्या हेतान, थांबयतात असो उल्लेख ह्या तियात्रांत आयिल्लो आसा. हाका लागून स्मग्लींग गोंयच्या वाठारांत जाता म्हणपाचें थावें जाता. भांगराचें आनी मोतयांचें स्मग्लींग जाता हाचोय उल्लेख ह्या तियात्रांत मेळटा (3/69,85). *'आयचो समाज'* तियात्र गोंयांतल्या 1975 आदींच्या काळाचो संदर्भ घेवन येता. ह्या काळार गोंयांत भांगार, मोतयां आदी मोलादीक वस्तू हांचें स्मग्लींग जातालें. "विसाव्या शेंकड्याच्या 70व्या आनी 80व्या दसकांत गोंय भांगर स्मग्लिंगा खातीर खूब फामाद आशिल्लें" हे विशीं 23 आगश्ट 2013 ह्या दिसा ऊ यराल्द दिसाळ्याचेर आयिल्लो लेख उजवाड घालता (Gold Smuggling). डिक्रूज ह्या पात्रा वरवीं गोंयांत स्मग्लींग चलतालें अशें लेखक दाखयता. डिक्रूजाची अर्थीक परिस्थिती बळिश्ट जावंक पावता. डिक्रूजाच्या पात्रा वरवीं स्मग्लींग करप्याची अर्थीक स्थिती लेखकान उजवाडाक हाडल्या.

समाजांत कसलेंय बेकायदेशीर काम सादोवपाक जाय जाल्यार अधिकार आशिल्ल्या मनशांच्या हातार कितेंय दवरचें पडटा. *'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत डेप्युटी सुप्रिटेंडंट ऑफ पुलीस रंजीत, इन्स्पेक्टर बर्गीस आनी इन्स्पॅक्टर खुर्चडकार हे स्मग्लींग सोंपें जावंचे खातीर डिक्रूजा कडल्यान भत्तो घेतात. रॉक पुलिसांक 20 हजार रुपया दिता आनी 50 लाखांचो स्मगलिंगाचो म्हाल हाडटा. हाका लागून संबंदींत मनशांक अर्थीक लाव जाता. लेखक ह्या तियात्रा वरवीं समाजांत जें बेकायदेशीरपणाचें कर्तूब चलता ताचें चित्रण करता.

## 7.9 निश्कर्श

कार्दोज हांच्या तियात्रांनी अर्थकारणा संबंदींचे निश्कर्श अशे आसात:

कार्दोजाल्या तियात्रांतलीं मुखेल स्थानार आशिल्लीं कुटुंबां नियाळाक घेतलीं जाल्यार उंचेलो वर्ग, मध्यम वर्ग आनी सकयलो वर्ग ह्या तिनूय वर्गांचें चित्रण जाल्लें आसा पूण खास करून उंचेलो वर्ग आनी सकयलो वर्ग हांचे संघर्श परिणामकारी जाल्यात. भांडवलदार आनी कामदार वर्ग हांची संघर्शमय परिस्थिती अशे अवस्थेंत पावतली आनी तातूंतल्यान सकयलो वर्ग क्रांतीचें वारें उबयतलो अशी कार्ल मार्क्सान जी क्रांती विशीं भविश्यवाणी केल्ली ती तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी साकार जाता ती दिसता.

पर्यटनाक लागून गोंयची अर्थीक परिस्थिती बळिश्ट जावपाक पावली पूण गोंयचीं तरणाटीं मात माती खावपाक पावलीं, हें वास्तवीक चित्र लेखक *'म्होंवाळ वीख'* ह्या तियात्रा वरवीं पिंतारता. 'पयश्यांची आशा आनी भुरग्यांची वायट दशा' हेंय सत्य लेखक ह्याच तियात्राच्या माध्यमांतल्यान उजवाडाक हाडलां.

घुंवळे वखदांच्या धंद्याक लागून गोंयची अर्थीक परिस्थिती साबार तरांनी इबाडल्या तांचें वास्तव चित्र लेखकान उजवाडाक हाडलां. तशेंच घुंवळे वखदांचो धंदो आनी बंदखण हांचें समिकरण तांच्या तियात्रांनी जाल्लें दिसता.

मनीस पयशे जोडपाक वेगवेगळे वेवसाय करता; गरज पडल्यार आपलेच कुडीचो वेवसाय करूंक फाटी रावना. हो वेवसाय भोव पुर्विल्ल्या काळा साकून आसलो जाल्यार समाज ह्या वेवसायाक मान्यताय दिना; हे अशे तरेचे विचार तांच्या तियात्रांनी व्यक्त जाल्यात.

गोंयकार आपली अर्थीक परिस्थिती बळिश्ट करपाक परदेशांत वतात जाल्यार बिगर गोंयकार गोंयांत येवन आपली अर्थीक परिस्थिती बळिश्ट करतात तें लेखकान दाखोवन दिल्लें आसा.

समाजाची भोव पुर्विल्ली सावकारी चाल तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी पडबिंबीत जाल्ली आसा.

मनीस आपलें काम जावपाक लागून संबंदीत मनशांक लांच दिवपाक फाटीं रावना अशे तरेचें वास्तव समाज जीवन लेखकान चित्रीत केलां.

वेपारी आपले पयशे जेन्ना राजकारणांत रकयतात तेन्ना राजकी मनशांक हाताच्या बोटांचेर नाचयतात. अशेच तरेची वास्तवीक परिस्थिती लेखकान आपल्या तियात्रांनी उजवाडाक हाडल्या.

मनशाक नोकरी मेळप म्हणल्यार मनशाची अर्थीक परिस्थिती सुधारप पूण हीच नोकरी खूब पयशे दिवन विकती घेवंची पडली जाल्यार मनशाक कसलो फायदो? अशे तरेचो प्रस्न लेखक मांडटा. नोकरे विशीं लेखकान जें समाज जीवन पडबिंबीत केलां तें भ्रश्टाचारान भरिल्लें आसा. ह्या भ्रश्टाचाराक लागून गिरेस्त मनीस गिरेस्त जायत वता तें दाखोवन दिलां आनी तशेंच पयशे आशिल्लो पयश्यांचे आशेक लागून तत्वां-मुल्यां सांडयत चल्ला तें लेखकान उजवाडाक हाडलां.

तोमाझिन्यु कार्दोजान *'आयचो समाज'* ह्या तियात्रा वरवीं गोंयच्या समाजांत जें स्मग्लींग चलतालें तें दाखोवन दिला. कांय मनीस ही वांकडी चाल आपणावन आपली अर्थीक परिस्थिती सुधारावंक मुखार सरतात तांचें फटींगपणाचें जीवन लेखकान पडबिंबीत केलां.

# प्रकरण 8

# तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन: संस्कृताय

## 8.1 प्रस्तावना

लेखक समाजांत जगतना आपले संस्कृतायेचें पालन करता. तो आपले संस्कृतायेचो एक भाग जावंक पावता. होच लेखक आपली बरपावळ करतना संस्कृताय ताचे बरपावळीचो भाग जाता. तोमाझिन्यु कार्दोजान आपले तियात्राचे बरपावळींत संस्कृतायेचें चित्रण केल्लें आसा. हें चित्रण तांणी कशे तरेन मांडून हाडलां तें ह्या प्रकरणांत अभ्यासलां.

## 8.2 भास: एक संस्कृतीक दायज

"भास म्हणल्यार संस्कृताय आनी संस्कृताय म्हणल्यार भास" अशें फातिहा गुसाबी हिणें लॅग्वेजमॅगेजीनडॉटकॉम ह्या ई-स्वरुपी नेमाळ्याचेर '*Blurring the Line between Language and Culture'* ह्या माथाळ्या खाला बरयलां. भास आनी संस्कृताय हांचे मदें एक विशेश संबंद आसा आनी हे दोनूय घटक एकामेकांत घुसपून आसात अशें गुसाबी फुडें स्पश्ट करता (Guessabi). खंयचेय एके भाशेची खबर करप म्हणल्यार त्या भाशीक समाजाची खबर करप आनी बराबर त्या समाजाचे संस्कृतायेची खबर करप अशें मानचें पडटा. तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी कोंकणी भाशेची खबर केल्या आनी हे वरवीं कोंकणी भास हो गोंयचे संस्कृतायेचो एक वेगळो करूंक जायना तसलो भाग अशें मानलां. आपली भाशा सांबाळप म्हणल्यार आपली संस्कृताय सांबाळप अशें लेखकाक दिसता. लेखकाक आपले भाशेचो खूब अभिमान

आसा. ह्या कारणांक लागून तांच्या तियात्रांनी परतून परतून भाशेचो विशय येता. होच विशय हांगा देखीं सयत स्पश्ट केला.

**देख 1.** *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत लेखकान रापोजाचें पात्र चित्रीत केलां. रापोजो एक राजकी उमेदवार आपल्याक क्रिस्तांवांचीं मतां मेळोवपा खातीर भाशेचो आसरो घेवन रोजीनाक सांगता, "आगो रोजीन ते कोंकणे खंय गोंयची भास मराठी करूंक सोदतात" (4/145).

*'आमी सगळे एक'* हो तियात्र कला अकादमीचे तियात्र सर्तींत 1993 वर्सा सादर जाल्लो. हो तियात्र 1993 वर्सा आदींच्या काळाची खबर करता. लेखकान हो तियात्र बरयलो तेन्ना 1985-1987 वर्सां मजगतीं राजभास आंदोलन ही कोंकणीची एक म्हत्वपूर्ण चळवळ जावन गेल्ली. हे चळवळींत लेखकाचेंय योगदान आसा. ह्या आंदोलनाचो तांचेर खूब प्रभाव जाल्लो दिसता. ह्या आंदोलनाचें पडबिंब तांच्या वयल्या संवादांतल्यान व्यक्त जाता. हो संवाद राजभास आंदोलना आदींचे परिस्थितीचो उगडास करून दिता.

1987 वर्सा पयलीं, हिंदू भोवजन समाजाक दिसतालें मराठी ही तांची आवय भास. कांय जाण म्हणटाले कोंकणी ही भास न्हय, ती मराठीची एक बोली. हाकाच लागून गोंयांत मराठी राजभास करूंक राजकारणी आपली चाल चलयताले. क्रिस्तांव आनी हिंदू समाजांतलो एक ल्हानसो गट कोंकणीची बाजू मांडटाले. तोमाझिन्यु कार्दोजान 'कोंकणे' हें उतर हिंदू भोवजन समाजाक लागू केल्लें आसा. असले कठीण परिस्थितीच्या वेळार कोंकणीच्या पुरस्कर्त्यांनी आपली बाजू घट केली. कोंकणी ही स्वतंत्र भास हें पुराव्यां सयत पटोवन दिलें. कोंकणी हीच गोंयची मुळावी आनी निजाची भास. तीच आमची आवयभास. ती सांबाळप म्हणल्यार आमची अस्मिताय राखून

दवरप. ही अस्मिताय राखून दवरप म्हणल्यार आमचें संस्कृतीक दायज तिगोवन दवरप. अशे तरेचो विचार नीज कोंकणी मनशाच्या मनांत फुलून आयलो. हाकाच लागून कोंकणी राजभास जावपाक पावली. तोमाझिन्यु कार्दोज ह्या तियात्रा वरवीं राजभास आंदोलनाचो विशय हाताळून गोंयांत जी स्थिती आशिल्ली तिची याद करून दितात. ही याद काडटना कोंकणीचें जैत म्हणल्यारूच संस्कृतीक दायज तिगोवन दवरपाचें जैत अशी भुमिका घेतात.

**देख 2.** *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत बोस्त्यांवाचें पात्र मेळटा. हें पात्र आपल्याक आनी आपले भाशेक अनीत जाता ते विशीं म्हणटा, "इंग्लेज आनी पुर्तुगेज उलोवपी लोकां फुड्यान आमी कोंकणी उलोवप्यांची सरकारी ऑफिसांनी कोण खबर घेता?" (2/25).

गोंय पुर्तुगेजांच्या सत्ते खाला आसतना उच्च वर्गी क्रिस्तांव गोंयकार पुर्तुगेज भास शिकताले आनी पुर्तुगेज भाशेंत उलयताले. पुर्तुगेज भाशेंत उलोवप म्हणल्यार मान आनी प्रतिश्ठा आसा अशें तांकां दिसतालें. ह्या गोंयकारांचो कोंकणी ही सकयल्या वर्गाची भास असो समज आशिल्लो अशें माधवी सरदेसाय '*Mother tongue blues'* ह्या लेखांत बरयता (Sardesai). गोंय मुक्ती उपरांत पुर्तुगेज उलोवप उणें जालें पूण पुर्तुगेज भाशेची सुवात इंग्लीश भाशा घेवपाक लागली. बोस्त्यांवालो संवाद कोंकणी भास उलयतल्यांक कमीपणान लेखतात ताचें चित्र पिंतारता.

*'कांटेच कांटे'* हो तियात्र 1980 वर्सा बरयला आनी हो तियात्र ह्याच काळाचें दर्शन घडयता. ह्या काळार कांय लोक आपलीं कामां करून घेवपाक इंग्लेज आनी पुर्तुगेज भाशा उलयताले हाचें चित्रण आयलां. ह्यो भाशा उलयल्यार त्यो उलोवप्यांक मान आसतालो अशी मानसीकताय त्या काळार आशिल्ली. हांगा कोंकणी उलोवप्यांक मान नासलो अशें दाखयलां. *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत ह्या असल्या काळाचें दर्शन

बोस्त्यांव ह्या पात्राच्या संवादा वरवीं लेखकान घडयलां. कोंकणी भाशेक आनी कोंकणी उलोवप्यांक फावो तो मान दिवपाक लेखक आपले बरपावळींतल्यान संदेश दिता आनी अशे तरेन कोंकणी भाशेचें दायज सांबाळपाचो उलो मारता.

ह्याच विशया संदर्भांत *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत डॉ. नॅन्सी हें पात्र शाळेक वचपी सलीमा कडेन इंग्लीश उलयता देखून तो डॉ. नॅन्सीक विचारता, "तूं कोंकणी उलोयना?" तेन्ना डॉ. नॅन्सी जाप दिता "No! We educated people never speak Konkani…" (2/16). कोंकणी ही अशिक्षितांची भास आनी इंग्लीश उलोवप म्हणल्यार मान-प्रतिश्ठा आसप अशे तरेची मानसीकताय डॉ. नॅन्सीच्या संवादांतल्यान उगडापी जाता. डॉ. नॅन्सी कोंकणीक उणाक लेखपी म्हणून जाणून विनोद (समाज सेवक आनी शिक्षक) डॉक्टराक कोंकणीचें म्हत्व पटोवन दितना म्हणटा:

… तूं फकत इंग्लेजींत उलोयता, म्हज्या कोंकणी विचारांक तूं इंग्लेजींतूच जबाब दिता. कोंकणी शिवाय, तुज्यान आमच्या गरीब लोकाची देखबाल कशी करूं येतली? म्हाका ह्या हॉस्पिटलांत असलो दोतोर जाय आसलो, लोकांची भास समजता आनी लोकांचेच भाशेन तांकां समजायता तसलो... कोंकणी उलोवंक लज दिसता जाल्यार कोंकणी लोकाची सेवा करूंक वीट दिसतली" (2/18).

लेखकान चित्रीत केल्ल्या ह्या देखाव्या वरवीं डॉ. नॅन्सी भाशेन जीं कोण कोंकणी ही अशिक्षितांची भास आनी इंग्लीश उलोवप म्हणल्यार मान-प्रतिश्ठेची रीत म्हूण समजतात तांचेर ही खर टिका केल्या.

*'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत अशेच तरेचो विशय हाताळ्ळा. पेरपेत पावलूची घरकान्न. ती आपल्या भुरग्यां बराबर मॉडर्न जावंक येवजिता. आदीं ती कोंकणी मिसाक वेताली, आतां ती इंग्लीश मिसाक वेता. तिचो घरकार पावलू तिका इंग्लीश भास

सारकी येना तें जाणून  विचारता: तूं इंग्लीश मिसाक वेता शें? ह्या प्रस्नाक जाप दिवन पेरपेत सांगता:

आरे बाबा, तूं मुरे सोमजोनाय, इंग्लीश भास सोमजोंक ना तोर ना सोमजोंक, पूण हांव इंग्लेजूच मिसाक वोयतोलीं कित्याक जाणा? … आरे इंग्लेज मिसाक फकत व्हडले व्हडलेच लोक आसतात न्हय? व्हडले दोतोर, आदवोगाद, आनी दुसरे शिकलोले पोय ते लोक. हांवूय त्याच इंग्लेज मिसाक गेलीं जाल्यार लोकाक तशेंच दिसतलें मुरे की हांव आनी आमची फामील तसल्याच व्हडल्या घराण्यांतलीं म्हूण (4/18).

समाजांत जायतीं जाणां आसात जांकां इंग्लीश भास सारकी समजना आनी मिसा वेळार जबाब पासून सारके दिवंक येनात; असल्यांचें जीवन तोमाझिन्यु कार्दोजान ह्या देखाव्यांतल्यान पडबिंबीत केलां. कोंकणी मनशान कोंकणी भाशेंतल्यान मिसांत वांटो घेवचो आनी अडेचे प्रतिश्ठेक लागून कोंकणी भाशेक अनीत करची न्हय असो लेखक पेरपेताच्या पात्रा वरवीं संदेश दिता.

**देख 3.** *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत पावलूचें पात्र आयलां. तियात्राचे सुरवातिकूच ताचीं भुरगीं केश्टी आनी पुवरी ताका "Good Morning dad" म्हणटात. तेन्ना तो तांकां थोमणे मारून विचारता, "आगो पिवरिफिकासांव, तुमकां जालां पूण कितें? आगो आयज आमचो सुर्या इंग्लंडाक उदेलो कितें गो?". पावलू तांकां 'देव बरो दीस दिवं' म्हणूंक बळ करता तेन्ना केश्टी जाप दिता, "We talk in English, we walk in English and we sleep in English."

'Good Morning' आनी 'देव बरो दीस दिवं' हीं उतरां इंग्लीश आनी कोंकणी भाशेन वापरतात. हीं उतरां वापरपी दुसऱ्या मनशाक 'तुजी सकाळ बरी जावं' असो आंवडो बाळगिता. कोंकणी भाशेंत एक वेगळेपण दिसून येता. तें म्हणल्यार 'देव' हें उतर आसा.

कोंकणी मनीस 'देव तुका बरी सकाळ दिवं' अशे तरेन आंवडेतात. हें कोंकणी भाशेचें खाशेलेपण तोमाझिन्यु कार्दोज आपल्या तियात्रांतल्यान दाखोवन दितात.

तोमाझिन्यु कार्दोजान केश्टी आनी पुवरी हीं मॉडर्न काळाचीं तरणाटीं आपल्या तियात्रांत चित्रीत केल्यांत. तांकां इंग्लीश भास आवडटा आनी रुचता. तीं सगळ्या वेळार इंग्लीश उलयतात. "We talk in English, we walk in English and we sleep in English" अशें सांगतात. हाका लागून लेखक तांच्या तोंडांत हो संवाद घालता. लेखकान हो संवाद तांच्या तोंडांत घालून त्या काळा वयल्या तरणाट्यांची (1980) मानसीकताय उजवाडाक हाडल्या.

पावलूक कोंकणी भाशेचो अभिमान आसा. ताका आपल्या घरांत कोंकणी जाय. इंग्लीश भाशेचें पिशें लागिल्ल्यांक तो कोंकणीचो अभिमान दवरपाचो उलो मारता. तोमाझिन्यु कार्दोजाकूय आपले कोंकणी भाशेचो खूब मोग आसा. हो ताचो कोंकणी भाशेचो मोग पावलूच्या पात्रा वरवीं व्यक्त जाल्लो दिसता.

**देख 4.** '*गोवा.. गोईंग.. गॉन?*' ह्या तियात्रांतलें पुष्पा हें बिगर गोंयकार पात्र म्हणटा, "हांव शाळा जाती न्हय गे? आनी कोंकणी शिकती..." (4/27).

गोंयांत बिगर गोंयकार जायत्या प्रमाणांत आसात. गोंयांतल्या बिगर गोंयकारांचें एक खाशेलेपण म्हणल्यार तांचो कोंकणी भास शिकून घेवपाचो सभाव. आपल्या वावराक लागून ते कांयच न्हय करून कोंकणी भास शिकून घेतात. तांची कोंकणी भास उलोवप विचित्र तरेन जाता हो एक वेगळो विशय आसलो तरूय तांची तुस्त-तोखणाय करिनासतना रावंक जायना. गोंयकार मात तांचे कडेन कोंकणी भास सोडून हिंदी भाशेंतल्यान उलयतना दिसतात. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांतले बिगर गोंयकार कोंकणींतल्यान उलयतात. इतलेंच न्हय, तर कांय जाण आपल्या भुरग्यांक कोंकणी

शाळेंत शिकूंक घालतात. पुष्पा ह्या बिगर गोंयकार पात्रा वरवीं हें स्पश्ट जाता. तोमाझिन्यु कार्दोज अशे तरेन बिगर गोंयकारांचे कोंकणी विशींचे भुमिकेचेर उजवाड घालतात. बिगर गोंयकार कोंकणी भास शिकतात, उलयतात आनी अशे तरेन गोंयचे संस्कृतायेचे भागीदार जातात.

**देख 5.** *'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांतलो पावलू आपले तोडकी-मोडकी इंग्लीश उलयतले घरकान्नीक म्हणटा, "पेरपेतीन, पळोय मुंगो म्हज्या भावाक? कॅनडाक रावन परियान ताणें आपलें गोंयकारपण सोडूंक ना, आपली कोंकणी भास सोडूंक ना" फुडें मागीर पावलूचो कॅनडाक आशिल्लो भाव आपले व्हनयेक म्हणटा, "वनिये तूं कसली म्हूण इंग्लेज उलोयताय? वनिये बरें करून आयक. आमी कॅनडाक आसोन पासून आमचें गोंयकारपण सोडूंक ना, गोंयच्यो चाली-रिती सोडूंक ना आनी कोंकणी भास सोडूंक ना..." (4/29).

गोंयकार देशाच्या वेगवेगळ्या कोणशांनी स्थायीक जाल्ले आसात. स्थायीक जावपा फाटलीं कारणां वेगवेगळीं आसूं येतात. हे गोंयकार परदेशांत आसतना तांकां कोंकणी उलोवपाक संद खूब उण्या प्रमाणांत मेळटा वा कोंकणी उलोवपाक मेळच ना. तांकां त्या त्या वाठाराची भास वापरची पडटा. असल्या गोंयकारांक कोणूय कोंकणी उलोवपी सांपडलो जाल्यार तांचे खुशालकायेक शीम-मेर आसना. तशेंच ह्या परदेशांत स्थायीक जाल्ल्या गोंयकारां खातीर कोणूय कोंकणी कार्यक्रम वा तियात्र सादर करता जाल्यार तांचो उपाट प्रतिसाद पळोवपाक मेळटा. हातूंतल्यान तांचो कोंकणी विशींचो मोग आनी आपले आवय भाशेचो अभिमान दिसता. तोमाझिन्यु कार्दोज परदेशांत आशिल्ले कितलेशेच गोंयकार कोंकणीच्या मोगान आनी अभिमानान भरिल्ले आसात तें दाखोवन दितना गोंयांत रावपी मनशां मदलीं कांय जाणां इंग्लीश भाशेचें पिशें लागिल्ल्या

पेरपेतीनाच्या रुपान दाखयतात आनी तांकां कोंकणीचो अभिमान सांबाळूंक उलो मारतात.

**देख 6.** "जोर रडटा पेजेक" (3/70), "कायलींतलो उसळोन उज्यांत" (5/8), "झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय" (5/27), "पाद्र विगाराचो सेर्मांव व्हनयेक न्हय" (5/27), "दिसता तशें नासता" (5/162), "कावळ्यान दुसरीं पांखां लायलीं म्हण तो मोर जाता?" (4/78), "शिता फुडें मीठ खावंचें न्हय" (4/87), "तलवारीन झगोडटा ते तलवारीनूच मरतले" (3/87), "चोराक दुबाव चांनन्याचो" (3/96), "हांव वारें मारता ते वाटेन सूप धरतां" (3/133) ... अशे तरेच्यो कोंकणी म्हणी-ओपारी तोमाझिन्यु कार्दोजाले बरपावळींत मेळटात.

आपलो वाठार आनी आपली भास जण एकल्याक खूब म्हत्वाची आसता. त्या त्या वाठाराक आपलें खाशेलेपण आसता. हें खाशेलेपण त्या त्या वाठाराची अस्मिताय जावंक पावता. गोंयचो वाठार म्हणटनाच 'कोंकणी भास' त्या वाठाराचें खाशेलेपण म्हणून थावें जाता. कोंकणी भाशेकूय आपलीं खाशेलेपणां आसात. कोंकणी म्हणी वा ओपारी हें कोंकणी भाशेचें खाशेलेपण. कोंकणी म्हणी वा ओपारी हीं गोंयचें परंपरीक दायज जें पुर्वजां कडल्यान फावो जालां. हें परंपरीक दायज गोंयचें खाशेलेपण. तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या साबार तियात्रांनी ह्या परंपरीक दायजाचो वापर केल्लो आसा.

खरें म्हणल्यार राजभास आंदोलन 1987 वर्सा कोंकणीक जैत मेळ्ळे उपरांत सोंपलें पूण तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रां वरवीं कोंकणीचें आंदोलन चालूच दवरलें तें वयल्या देखींतल्यान स्पश्ट जाता. तोमाझिन्यु कार्दोजाक आपले भाशेचो खूब आदर आसा हें तांणी कोंकणी भाशेचो विशय हाताळ्ळा तातूंतल्यान थावें जाता. आवय भास

कोंकणीक आपले कोणेच कमीपणान लेखिनासप अशी शिकवण तांच्या तियात्रांतल्यान मेळटा. कोणूय आपले भाशेक उणाक लेखता तेन्ना लेखक विनोद ह्या पात्रांतल्यान कोंकणीचो स्वभिमान जागयता आनी नॅन्सी सारक्या दोतोराक पासून कोंकणी उलोवपाक बळ करता. लेखक पावलूच्या पात्रांतल्यान इंग्लीश उलोवपी तरणाट्यांक कोंकणी उलोवपाक प्रेरीत करता. अशे तरेची भाशा भक्ती ध्यानांत घेतली जाल्यार लेखकान बरयिल्ले तियात्र कोंकणी भाशेचे रक्षक आनी प्रचारक म्हणप समा आसा.

## 8.3 न्हेसण

तियात्र माचयेर सादर जाता तेन्ना पात्रांचीं न्हेसणां कशीं आसतलीं हाची मांडावळ करपाक एक मनीस वेंचून काडिल्लो आसता. हो मनीस योग्य पात्राक योग्य न्हेसण सुचयता आनी बंदोबस्त करता. हो सोदवावर सादरीकरणाचेर आदारीत नाशिल्ल्या कारणान न्हेसणांचेर भर घालपाक मेळना. फकत संहितांच्या आदाराचेर न्हेसण ध्यानांत घेवचें पडटा. कांय कडेन न्हेसणांचो संदर्भ वा उल्लेख मेळटा.

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत फोर्सू आनी कारमीन रेस्पेराचें न्हेसण घालून आसात म्हणपाचें कंसांत बरयल्लें वाचूंक मेळटा (4/47). गोंयांत क्रिस्तांव धर्म आयलो तेन्ना साकून व्हंकलेचें हें धवें न्हेसण वापरांत आसा.  हें असलें न्हेसण फकत क्रिस्तांव समाजाची व्हंकल वापरता. हिंदू आनी मुसलमान हांचें न्हेसण अशे पद्दतीचें आसना. ताका लागून हें न्हेसण क्रिस्तांव समाजाचें एक खाशेलेपण म्हूण थावें जाता. मनीस आपल्या न्हेसणा वरवीं आपले संस्कृतायेचें दर्शन घडयता आनी बराबर आपल्या समाजाची वळख घडयता अशें ह्या वयल्या संदर्भा वरवीं खात्रेन म्हणूं येता.

आदीं कुणबी समाजाची अस्तुरी देंठली न्हेसताली, आतां हें न्हेसण नदरेक पडपाक कठीण. लेखकान आपल्या तियात्रांनी कुणबी समजाक उकतेपणीं चित्रीत करूंक ना

हाका लागून ह्या समाजाचें न्हेसण चित्रीत जाल्लें दिसना. *‘आमी सगळे एक’* ह्या तियात्रांत भाटकाराचें पात्र चेपें, कोट, मोटवें काल्सांव आनी लांब काल्सांव ह्या न्हेसणांचें चित्रण आयलां (4/137f). हीं न्हेसणां त्या काळार भाटकार न्हेसताले तांची वळख घडयता. आतांच्या काळार भाटकार अशे तरेन न्हेशिल्ले दिसपाक भोव कठीण.

*‘गोवा.. गोईंग..गॉन?’* ह्या तियात्रांत पेरपेत हें पात्र म्हणटा, “... आमी जिवीत भर कापडूच न्हेसचें म्हूण कोणें सांगलां? त्या खातीर हांव आनीक ह्या फुडें कापड न्हेसचीं नां. हे भाशेन स्कर्ट सूट, टायट स्कर्ट आनी नव्या नव्या मोदेचीं न्हेसणां न्हेसतोलीं” (4/12). 2000 वर्सा आदींच्या काळांत कापड न्हेसप ही चाल आसली. ही कापड न्हेसपाची चाल 2000 वर्साच्या काळांत एक नवें वळण घेता. ह्या नवेपणाचो वा बदलाचो लेखकान आपल्या तियात्रांत वापर केला. लेखक पावलूच्या पात्रा वरवीं कापड न्हेसपाची आदली चाल सांबाळपाचो उलो मारता. पेरपेत हें नवेपण स्विकारता म्हणल्यारूच अस्तंती जावपाक पावता ताचें चित्र लेखक रंगयता जाल्यार ह्या पात्रा वरवीं बदलत्या काळाचें दर्शन घडयता.

तोमाझिन्यु कार्दोजालो दर एक तियात्र त्या त्या काळांतल्या गोंयचें दर्शन घडयता. तांचो दर एक तियात्र न्हेसणांचो उल्लेख करता तेन्ना त्या त्या काळाची दखल घेता. ही लेखकान वापरल्या ती न्हेसणाची रीत, गोंयची संस्कृताय पडबिंबीत करता आनी त्या त्या काळार जो न्हेसणां संबंदीं बदल जाला ताचेर उजवाड घालता.

### 8.4 परंपरीक वेवसाय

नुस्तेकार, शेतकार, पदेर, थवय हे गोंयचे कांय परंपरीक वेवसाय. तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी ह्या परंपरीक वेवसायांची खबर केल्ली आसा. *‘झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय’* हो तियात्र पुरायपणीं नुस्तेकार समाजाचेर आदारीत आसा.

1980 वर्सा उपरांतच्या काळांत थोडे गोंयकार परंपरीक वावराक फाट करपाक लागले. परंपरीक वावराक फाट करपाचीं साबार कारणां आसलीं. लज एक मुखेल कारण जावपाक पावलें हाची लेखकान बेस बरे तरेन दखल *‘झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय’* ह्या तियात्रांत घेतल्या. देखीक: लिना कॉलेजीक वचपी तरणाटें आपल्याक ‘ताल्ली, ताल्ली’ म्हणून चाळयतात देखून तें आपल्या घरच्यांक नुस्तें विकपाचो धंदो बंद करपाक सांगता. इतलेंच न्हय; लिना खारवी समाजांतलें दिसपाक नाका देखून लिनाचो न्हवरो ताका घेवन फ्लॅटांत रावपाक वता. तशेंच ह्या लिनाच्या घरांत कारमीन नवेंच काजार जावन आयले उपरांत आपूण खारवी समाजांतलें दिसपाक नाका देखून आपल्या घरकाराक फोर्सूक कुशीन रावपाक घेवन वेता. फोर्सू आपल्या भावाक नुस्त्याच्या धंद्यांत आदार करतालो ताका बंद करता आनी कुवेटाक वचपाक लायता. 1986 वर्सा हो तियात्र बरयलो तेन्ना जायते जाण आपलो नुस्त्याचो धंदो सोडून परदेशांत वेताले; ताचेंच वास्तवीक चित्रण लेखकान केलां.

नुस्त्याचो धंदो करप म्हणल्यार मान आनी प्रतिश्ठा नाशिल्लो वावर असो समज पसरत गेल्लो आनी परदेशांत वचप म्हणल्यार फुडार भांगरा सारको जावप अशी मानसीकताय दिसून येताली. असले परिस्थितींत तोमाझिन्यु कार्दोज ह्या तियात्रा वरवीं नुस्त्याचो वावर करपाक लज ना आनी त्याच वावरांत खरें भांगर लिपून आसा हें सत्य उजवाडाक हाडटात. तशें करतना लेखक जाकी आनी कोन्सू हीं खारवी समाजांतलीं पात्रां उबीं करता. लजेक लागून तांचीं घरचीं (लिना, फोर्सू आनी कारमीन) तांचो अपमान करून सोडून वेतात. तांची अर्थीक परिस्थिती खूब वायट दशेर पाविल्ली आसता तरी पूण तीं धीर सोडिनात. आपल्या वावराक पवित्र आल्तार कसो मानतात. खरे निश्ठेन आनी प्रमाणीकपणान आपलो नुसत्याचो वावर तीं करतात. शेवटाक ह्या वावरांतल्यान तांचें

क्ल्याण जाता आनी जीं घरचीं तांकां प्रसंगा वेळार सोडून गेल्लीं तीं तांच्या पांयां म्हऱ्यांत पावतात.

नुस्तें मारप हो गोंयकारांचो भोव पुर्विल्लो परंपरीक वेवसाय. हो वेवसाय चालू दवरप म्हणल्यार परंपरीक दायज सांबाळप. तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी कांय परंपरीक वेवसायांची दखल घेतल्या. खास करून नुस्त्याच्या वेवसायाचेर तांणी विस्तारान उजवाड घाला. तांचो बापूय नुस्तें धरपाक वेतालो आनी तांची आवय नुस्तें विकपाक वेताली. ह्या नुस्त्याच्या वेवसायाचो तांकां अभिमान आसा. ह्या नुस्त्याच्या वावराक कोण लजतात आनी विट्टात तांचेर ते आपले लिखणेंतल्यान चाबूक मारतात. तशेंच जे कोण ह्या वावरा कडल्यान पयस वचूंक सोदतात ताकां चतूर जावपाचो उलो मारतात. लेखक गोंयचे अस्मितायेचो बावटो उबयतना दिसता. हो बावटो उबोवपाक ते जाकी आनी कोन्सूची भुमिका घेता आनी अशे तरेन ते परंपरीक वेवसाय सांबाळपी जाता. त्या त्या काळाची गोंयची परिस्थिती दोळयां मुखार हाडटा आनी परंपरीक वेवसाया संबंदान गोंयकारांक जागृत करपाचो प्रयत्न करता.

### 8.5 खाण-जेवण

दर एका वाठारा प्रमाणें मनशाचें आपलें खाशेलें खाण-जेवण आसता. गोंयांत पासून वेगवेगळया वाठारा आनी समाजा प्रमाणें वेगवेगळीं खाणां-जेवणां आसात. सामान्यपणान शीत-कडी हें गोंयचें खाशेलें जेवण आसलें जाल्यारूय दर एका समाजा प्रमाणें खाणां-जेवणां बदलतात. देखीक: दुकराच्या मासाचो संदर्भ (4/155) *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत आयला. दुकराचें मास खावप हें गोंयच्या क्रिस्तांव समाजाचें एक खाशेलेपण. हेंच दुकराचें मास मुसलमान समाजान खावंचें न्हय अशें तांच्या कुराणांत आसा. तशेंच, गायचें मास खावप हें मुसलमान समाजाचें खाशेलेपण जाल्यार

हिंदू समाज पवित्र मानिल्ले गायचें मास खायना. पुडींग (5/31), चोण्याची दोस, बोलिना (4/89-90) आदी खाणां चडशीं गोंयच्या क्रिस्तांव समाजा कडेन संबंदीत आसात. हीं अशे तरांचीं खाणां गोंयच्या हिंदू आनी मुसलमान समाजांत मेळपाक कठीण. बुंदीचे लाडू (4/136) हें खाण हिंदू समाजांत सहजपणीं आसता ताची खबर *'आमी सगळे एक'* ह्या तियात्रांत आयिल्ली आसा. अशे तरेन समाजा प्रमाणें खाणां-जेवणां बदलतात ताचें चित्रण लेखकान आपल्या तियात्रांनी केल्लें आसा.

## 8.6 फेस्तां-परबो आनी हेर सुवाळे

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी फेस्तां आनी परबांचो विशय चडसो आयिल्लो ना. फकत *'काळोख आनी उजावड'* आनी *'इश्ट'* ह्या तियात्रांनी फेस्तां आनी परबांचो उल्लेख मेळटा. देखीक: क्रिस्मस (5/23), नवें वर्स (5/23),पास्कां (5/23), दिवाळी (5/23), चवथ (5/23), शिगमो (5/23), कार्नावाल (5/63).

गोंयांत वेगवेगळीं फेस्तां आनी परबो जातात. हीं फेस्तां आनी परबो गोंयचे संस्कृतायेचो एक विशेश भाग. हीं फेस्तां आनी परबो गोंयांत धर्मा प्रमाणें मनयतात तीं एकचाराचें नातें बांदून आसात म्हूण लेखक सांगता.

## 8.7 परंपरीक गितां

'गोवा.. गोईंग.. गॉन?' ह्या तियात्रांत परंपरीक गितां संबंदीं निराशीपण व्यक्त जाल्लें आसा:

"आयचो गोंयकार कोंकणी उलोयना
मांडो दुलपदां, वोंटार खेळयना
इंग्लेज तासुनू, डिस्को नाचोनू

आमकांच कोरता नास, गोंयकारपण फुलयना" (4/5)

गोंयांत मांडो आनी धुलपदां गावपा-नाचपाची संस्कृताय आसा. ही संस्कृताय पुर्वजांनी एक दायज कशें फावो केल्लें आसा. तोमाझिन्यु कार्दोज एक मांडो मोगी जाल्ल्यान मांडो सदांच फुलचो आनी हें संस्कृतीक दायज सदांकाळ तिगून उरचें अशी अपेक्षा बाळगितात.

### 8.8 चाली-रिती आनी समज

मनीस समाजांत जगतना जायत्या चालीं-रितींक पाळो दिता. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी कांय प्रमाणांत चालीं-रितींचो विशय आयिल्लो आसा. कांय चाली-रिती आयल्यात त्यो अश्यो:

### 8.8.1 काजारा संबंदीं

क्रिस्तांव 'काजार' जाल्यार हिंदू 'लग्न' आनी मुसलमान 'शादी' हें उतर वापरतात. तोमाझिन्यु कार्दोजान चड करून आपल्या तियात्रांनी काजाराचो विशय हाताळ्ळा. *'दिता तशें घेता', 'अंतस्कर्ण आनी कायदो', 'हॅलो आंकल', 'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* आदी तियात्रांनी काजाराची खबर मेळटा. *'समाज सेवा', 'आमी सगळे एक', 'काळोख आनी उजवाड', 'समाज सेवा', 'इश्ट'* आदी तियात्रांनी काजार वा लग्न जावपाचो प्रयत्न दिसता. ह्या सगळ्या तियात्रांनी काजाराचो वा लग्नाचो विशय आयिल्ल्यान तातूंत ते संबंदींच्यो चाली-रिती दिसतात.

#### 8.8.1.1 सोयरीक

*'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांतलें मिलाग्रीन आपल्या काजार जावंक सोदतल्या पुताक म्हणटा, "आरे बाबा, व्हकल बेश्टीच सोदून काडटा रे? ताचो पाय कोण, तांचें घोराणें

कसलें, तांची जात कात कसली, तीं गरीब वो गिरेस्त हें सगळें पळोवंक नाका?" (3/136).

काजार जावंचे पयलीं सोयरीक जावप हो एक म्हत्वाचो भाग. सोयरीक करप म्हणल्यार व्हंकल आनी न्हवरो हांचें जुळोवप. ही सोयरीक प्रक्रिया चलतना दोनूय कुटुंबां व्हंकल वा न्हवरो हांची खबर काडटात, कुटुंबाची सोदपूस करतात, तांची जात-कात पळयतात, तीं गरीब वा गिरेस्त हें पारखून काडटात. अशे तरेची चाल तोमाझिन्यु कार्दोजान वयल्या संवादा वरवीं स्पश्ट केल्या.

### 8.8.1.2 काजाराचें उलोवप

*'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांतलें पात्र मिलाग्रीन हिच्या घरा तिचो पूत क्लिफर्ड हाच्या काजारा संबंदान काजाराचें उलोवप करपाची परंपरीक चाल पाळटात. मिलाग्रीन दोत-देणें वा हुंडो मागतना म्हणटा, "... पळे रोल्दांव, आमकां दोत उणीच ती 50 हजार रुपया जाय, एक मिशीन, एक कपबर्ड जाय, एक भांगाराचो ज्योग, 7,7 भांगाराचीं कांकणां, नोवऱ्याक सुटाक कुडको आनी जाता जाल्यार एक स्कुटर, इतलेंच, आनीक कांयच नाका" (3/141f).

सोयरीक जुळून आयले उपरांत वा मोगान आसल्यार पासून काजाराचें उलोवप करपाची परंपरीक चाल आसा. हें उलोवप करतना काजारा संबंदीं पुरायपणान उलोवणीं जाता. दोत-देणें वा हुंडो मागपाची चाल, ह्याच उलोवपाचो एक मुखेल भाग अशें मानतात. तोमाझिन्यु कार्दोजान मिलाग्रीनाच्या पात्रा वरवीं  उलोवप करपाची चाल आसा ती उजवाडाक हाडल्या.

### 8.8.1.3 होर भितर काडप

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत क्रिस्पीन हें पात्र म्हणटा, "आरे ते वकलेच्या गोळ्यांत मिसता पोडांची सरपळी नासली. ती नोवऱ्याची मांय सारकी लुसिफेर कोशी मुरे. ती मुणो लागली, गोळ्यांत सोरपोळी ना जाल्यार वोर भितर काडिना." (4/82).

गोंयांत क्रिस्तांव समाजांत इगर्जेंत काजार जाले उपरांत न्हवरो व्हंकलेक आपल्या घरा व्हरता. घरा भायर माटोव घाल्लो आसता. ह्या माटवांत होर भितर काडप जाता. होर भितर काडटना न्हवऱ्याचे आवयन व्हंकलेच्या गळयाक पोडांची सरपळी घालून तिका भितर काडपाची चाल आसा. *'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत हे चालीचें चित्रण आयलां पूण ही चाल उरफाटी जाल्ली ती क्रिस्पीनाच्या संवादा वरवीं स्पश्ट जाता.

### 8.8.1.4. परतणें

काजाराची पयली रात न्हवऱ्यागेर सारले उपरांत दुसऱ्या दिसा न्हवरो आपल्या लागशिल्ल्यांक घेवन व्हंकलेच्या घरा वता. हे अशे तरेचे चालीक परतणें अशें म्हणटात. न्हवरो व्हंकलेच्या घरा दुसरी रात सारता. हें परतणें जाले उपरांत न्हवरो व्हंकलेक आपल्या घरा व्हरता. ह्या वेळार व्हंकलेचीं आवय-बापूय तांकां पावोवपाक न्हवऱ्याच्या घरा येतना धुवेक वजें दितात, अशी काजारा संबंदीं चाल आसा. तीं सगळीं न्हवऱ्यागेर पावले उपरांत फोगेट्यो लावन तांकां येवकारतात. अशेच तरेची चाल तोमाझिन्यु हांणी *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत चित्रीत केल्या (3/105-110).

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या साबार तियात्रांनी काजाराच्यो चाली-रिती आसात तांचेर उजवाड घाला. सोयरीक करप, लग्नाचें उलोवप करप, होर भितर काडप, परतणें ह्यो

चाली-रिती गोंयांत आशिल्ल्या हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजाक लागींच्यो आसात. ह्यो चाली-रिती हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजाक लागींच्यो आसल्यो तरी त्यो चाली-रिती क्रिस्ती समाजाच्यो म्हणपाचें थाव्यो जातात: कारण होर भितर सरतना गळयाक सरपळी घालप लेखकान चित्रीत केलां तें फकत क्रिस्ती समाजांत जाता. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांत काजाराच्यो चाली-रिती म्हणल्यार संस्कृतीक दायज अशें घोशीत जालां. ह्यो चाली-रिती सांबाळपाचो लेखकान उलो मारला.

### 8.8.2 मरणा संबंदीं

मरणाची खबर आमच्या कानार सादतांच आमचेर आकांत सुट्टा. मरणा वरवीं सगळें एकाच खिणांत ठप्प जाता. मरण कोणाकूच नाका. पूण तें टाळूंक जायना. मनीस मरता तेन्ना त्या त्या समाजांत आपल्यो चाली-रिती आसात. *'अर्थ', 'एक्सिडण्ट', 'कांटेच कांटे', 'आयचो समाज', 'दिता तशें घेता', 'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांनी तोमाझिन्यु कार्दोजान मरणाचो विशय हाताळ्ळा. ह्या तियात्रांनी चालीं-रितींचें चित्रण आयलां.

#### 8.8.2.1 बुजवण दिवपाची चाल

*'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांत सुरवातिकूच फॅलिक्स ह्या पात्राच्या मरणाची खबर आयकुपाक मेळटा. गांवचो पाद्री विगार त्या घरांत बुजवण दितना कातारिनाक (फॅलिक्साची आवय) सांगता, "कातारीन तूं उचांबळ जायनाका... हांव समजतां तुजें दूख... देवाचेर शीण करिनाकाय... देवाचो घूट देव जाणा...देव जें कितें निर्मिता तेंच घोडोन येता... देव मनशाक केदनाच वायट करिना..." (4/178-179). पाद्री विगार उलोयले उपरांत मारिया (फॅलिक्साची घरकान्न) आपल्या सुपुल्ल्या पुताक घेवन भितर सरता तेन्ना थंय आयिल्लो लोक बुजवण दिवंक आनी पाचारूंक फुडें येता.

मरण ही दुख्खाची खबर. पाद्रीन मरणाच्या घरांत वचून मेल्ल्याच्या घरच्यांक बुजवण दिवपाची चाल आसा. तशेंच शेजारी, सोयरीं-धायरीं, आनी लागशिल्लीं पाचारपाक येतात. लेखकान ही चाल पडबिंबीत केल्या.

### 8.8.2.2 मरणा विशीं आचार आनी समज

*'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांत फॅलिक्स आनी मारिया हांकां भुरगें जल्माक येता तेन्ना दोतोर फॅलिक्साक एक वखद हाडपाक लायता. वखद हाडूंक वेता आसतना अपघात जावन तो सोंपता तेन्ना फॅलिक्साची आवय त्या भुरग्याक पळोवन उदगारता, "तो जल्मोला तो पूत न्हय तो एक राकोस, ताणेंच म्हज्या पुताक खालो...तो एक राकोस.. तो म्हाका म्हज्या दोळ्यां मुखार नाका....पायक खायरो नोश्टो तो... तांकां ह्या घरांतलीं धांवडायात (4/179). फुडें ती सुनेक म्हणटा, "तूं घराब्याची सून न्हय...तूं पिडा म्हज्या घरांत भितर सोरोन म्हजी दुरदशा केली...तुवें आनी तुज्या पुतान म्हज्या एकल्याच पुताक फोंडांत घातलो" (4/192).

लग्न जावन घरकार रोखडोच मेलो जाल्यार समाज घरकान्नीक गैरसमजणेन वागयता तें नियाळ्ळें जाल्यार विचित्रूच दिसता. तिची कांय चूक आसना पूण तिका नाका जाल्लें आयकुचें पडटा. तिका लागून तशें जावपाक पावलें अशे तरेच्या आचारान भरिल्ली मानसीकताय समाजांत अणभवपाक मेळटा. तोमाझिन्यु कार्दोजान समाजांत आशिल्ल्या असल्या विचित्र आचाराचें चित्रण केलां. ह्या चित्रणा वरवीं लेखक समाजाक हारसो दाखयतात आनी फॅलिक्साचे आवय भाशेन जावचें न्हय अशी शिकवण दिता.

*'एक्सिडण्ट'* ह्या तियात्रांत बोस्त्यांव हें पात्र मरून गेल्ल्या फॅलिक्सा विशीं म्हणटा, "काय बरो फॅलिक्स बाब आसलो, सदांच सांगतालो सोरो पिवन मोटोर सायकल

चलोयनाका म्हूण... 'drinking and driving no mixing' आतां कोण सांगतलो रे फॅलिक्स?" (4/177).

'मेल्ले म्हशीक बारा शेर दूद' अशी एक म्हण आसा. हे म्हणणे प्रमाण मनीस मेले उपरांत ताची माप-मेजप नासतना तुस्त जाता. समाजांत अशे तरेची वागणूक जाता ती तोमाझिन्यु कार्दोजान बोस्त्यांव ह्या पात्रा वरवीं उजवाडाक हाडल्या.

तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या साबार तियात्रांनी गोंयच्या समाजांत आशिल्ल्या मरणा विशीं चाली-रिती, आचार आनी समज हांची दखल घेतल्या. गोंयच्या समाजांत मरणा विशीं साबार चाली-रिती आनी आचार आसात पूण लेखकान वयर उल्लेख केल्ल्या कांय वेंचीक चालीं-रितींची आनी आचारांची नोंद केल्या. ही तांणी केल्ली नोंद क्रिस्तांव समाजांतली अशी थावी जाता. देखीक पाद्री मरणाच्या घरा येवन बुजवण दिता. तोमाझिन्यु कार्दोज आपले बरपावळी वरवीं मरणा संबंदीं चालीं-रितींचो वापर करून गोंयच्या समाजांत चालू आशिल्ल्ले संस्कृतायेची दखल घेतात. देखीक: बुजवण दिवप, मेल्ल्या मनशाची तुस्त करप, मेल्ल्या मनशा खातीर प्रार्थना करप, मेल्ल्या मनशाक गाळी घालप ना आदी.  हें अशे तरेचें बरेपण लेखक ऊंच उबारून धरता आसतना लेखक मरणा संबंदीं जे वांकडे तरेचे आचार आसात तांचो प्रतिकार करता.

### 8.8.3 वाडदीस मनोवपाची चाल

*'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांत वाडदीस समारंभपाची चाल तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्या. मारिया ह्या पात्राचो वाडदीस आसता. ह्या वाडदिसाक लागून बाट्टू बरें रुचीक जेवण रांदता. मारियाचो मोगी विजय आनी हेर इश्ट-इश्टिणी येवपाचीं आसतात. मारियाचो भाव मारियाक  'टेप रिकॉर्डर' भेटवस्त कशी दिता. मारिया आपल्या वाडदिसा निमतान कांतार गायता (5/31f).

आमी साबार तरांचे समारंभ करतात. वाडदीस तातूंतलो एक समारंभ. वाडदीस समारंभपाची चाल समाजांत आसा. ह्या समारंभा निमतना जेवण रांदप जाता, इश्ट-इश्टिणींक आपोवणें दितात, भेटवस्त दितात, सावूद करतात, कांतार वा कांतारां गायतात आदी. तोमाझिन्यु कार्दोजान जें समाजांत वाड दिसाक घडून येता ताचें वास्तवीक चित्रण केलां.

### 8.8.4 घरांत सोरो पियेवपाची चाल

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या साबार तियात्रांनी घरांनी सोरो पियेवपाची चाल दिसता. *'अंतस्कर्ण आनी कायदो'* ह्या तियात्रांत पिकेनिन्यु (विनोदी पात्र, रापोजाच्या घरांत काम करपी) रापोजाक सेर्वेजीचें कोप घेवन येता. रापोजोची सदांची संवय कशी तो घरांत बसून सेर्वेज पियेता. गोंयच्या समाजांत अशे तरेन सोरो पियेवपी मनीस आसात जे घरांत बसून आपले संवये प्रमाण सोरो पियेतात ताचें रापोजो हें पात्र प्रतिनिधित्व करता.

*'आयचो समाज'* ह्या तियात्रांत डिक्रूज (पात्रांव) आनी रॉक (कामदार) सोरो पियेतात (3/85). कामदारान बेस बरे तरेन आपलें काम केलें देखून पात्रांव कामदाराक सोरो दिता आनी ताचे बराबर आपुणूय पियेता. कांय गोंयकार सोरो पियेवपाक कारणां सोदतात. डिक्रूज तातूंतलो एक.

*'भुरगीं आमची गिरेस्तकाय'* ह्या तियात्रांत बॅनी आपल्या वाडिल्ल्या भुरग्यांक आनी कुजनेराक सोरो पिवंचे खातीर म्हणटा, "चल त्रिस्तांव आनीक तीन ग्लास हाड. एक ब्रांकोबाबाक, एक ब्रॅण्डाबायेक आनी एक तुका" (3/34).

तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी सोरो पिवपाची चाल दाखयिल्ली आसा. ही चाल बरी अशे तरेची प्रगटणी केल्ली दिसना आनी ना म्हणून ही चाल वायटाक पडटा

असो विरोधूय केल्लो दिसना. लेखकान गाडी चलयता तेन्ना सोरो पियेवप ना अशे तरेची सुचोवणी मात दिल्ली आसा. लेखकान ही चाल फकत गोंयच्या समाजाचो एक हारसो कसो दाखयिल्ली आसा.

### 8.8.5 भुतां विशीं समज

भुतां विशीं समाजांत वेगळे वेगळे समज आसात. तोमाझिन्यु कार्दोजान: *'दिता तशें घेता'*, *'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'*, *'इंस्पेक्टर'*, *'काळोख आनी उजवाड'*, *'कांटेच कांटे'*, ह्या आपल्या तियात्रांनी असले आचार-विचार वा भुतांचो विशय हाताळ्ळा.

*'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत क्रिस्पीन ह्या पात्रान मोर्तू कडेन सरपळी दवरून पयशे घेतिल्ले आसतात. क्रिस्पीन आपूण मेलो म्हणून सांगून, आपूण क्रिस्पीनाचो भाव कसो वागता. आपल्या भावाचें भूत आपली सरपळी मागता म्हणून सांगून मोर्तूक भिवोवपाचो प्रयत्न करता. तातूंत आकाज भागिदार जावन आपूण क्रिस्पीनाचे 500 रुपया परत दिवपाचें ढोंग करता. आकाजाक क्रिस्पीन कशे तरेन सतायता तें सांगपाचें ढोंग बेस बरे तरेन करता. मोर्तू पयलीं आपूण भुतांक भियेना म्हणून सांगता आनी शेवटाक क्रिस्पीन भूत कशें न्हेसून येता तेन्ना भियेता आनी सरपळी दिवन पळ काडटा. भुतांच्या नांवान क्रिस्पीन आपलें रीण फेडटा आनी आपली सरपळी मेळोवन घेता.

भुतां सतायतात अशी कांय जाणांची मानसीकताय आसता. समाजांत कांय मनीस आसतात जे असले मानसिकतेचो फायदो घेवन आपलें काम सादयतात. भुतां मनशाक सतायतात वा भुतांच्या नांवान मनीस आपलें काम सादयतात हाचे विशीं लेखकान उजवाड घाला.

कांय फावटीं कांय जाणां जिवंत आसतनाच हे असलेच मानसीकतायेचो फायदो घेवन दुसऱ्यांक ब्लॅकमेल करूंक वावुरतना दिसतात. *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत फॅल्सी हें पात्र म्हणटा, "हांव जीव दितोलीं खोरीं पूण एलॅक्स तुका कोशींच सोडचीं ना. म्हजो ओत्मो तुका दीस आनी रात सोतायतोलो" (3/134). हांगा फॅल्सी आपल्या घरकाराक आपल्या चपक्यांत दवरपा संबंदान अशें म्हणटा. असलोच विचार *'इंस्पेक्टर'* ह्या तियात्रांतलें लोपीस ह्या विनोदी पात्राच्या तोंडांतल्यान भायर सरता, "ओय डॅडी, केदनाय येता. मेलोलो मुनीस भूत जावन येता डॅडी" (5/183). खरें म्हणल्यार रोल्दांव लोपीसाच्या मरणाची खबर करता तेन्ना लोपीस हो संवाद उच्चारता. ह्या संवादांतल्यान मनीस मेले उपरांत भुताच्या रुपान हाजीर जाता अशे तरेची मानसीकताय लेखकान उबी केल्या.

भुतांचे पांय वांकडे आसतात असो एक समज आसा. *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांत शेंबू हें पोलियो जाल्लें पात्र आसता. शेंबू आपल्या कामा खातीर नितिदार ह्या पात्राक मेळूंक येता. अशा वेळार रघू हो नितिदाराचो कामदार शेंबूक पळोवन म्हणटा, "म्हजी आजी सांगताली की, भुतांक पांये वांकडे आसतात म्हूण. आरे शेंबू गोंवदोळकार, तूं मनीस वो भूत रे?" (5/11). ह्या संवादांतल्यान भुतांचे पांय वांकडे आसतात अशे तरेचो समज समाजांत आसा अशें लेखक दाखोवन दिता.

मनीस आपूण पाप करता आनी साव म्हूण दाखोवंक आपलें पाप दुसऱ्या मनशाचेर थापता. दुसऱ्याचेर म्हणटा तेन्ना भुतांचेर पासून थापूंक फाटीं रावना. *'कांटेच कांटे'* ह्या तियात्रांत पाद्री विगार विनोदी पात्राक (लोरसू) विचारता, "… आमचे शिमितेरी फाटल्यान पांच माड आसात, तांचे नार्ल खंय वेतात रे?" (2/29). शिमितेरींतलीं आल्मां बा खातात आसतलीं अशी जाप लोरसू दिता. खरें म्हणल्यार भुतांनी असली करणी केल्ली आयकूंक येना तरी पूण ह्या वयल्या संवादाच्या रुपान लेखक विनोद

करता, हें खरें आसलें जाल्यारूय समाजांत कांय मनीस आपलें पाप भुतांचेर थापपाक तयार आसतात तांचें चित्रण लेखकान हास्य पद्तीन उबें केलां.

वास्तवांत भुतां आसतात? हाची जाप तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांच्या माध्यमांतल्यान दिल्ली दिसना पूण भुतांची संकल्पना तांच्या तियात्रांनी उजवाडाक आयल्या. देखीक: मनीस मेले उपरांत भुतांच्या रुपान दिश्टी पडप, ह्या भुतांचे पांय वांकडे आसप, हीं भुतां शिमितेरींतले नार्ल खावपी, मेल्ल्या मनशाक कितेंय वांकडें म्हणटात तेन्ना गळ्याक धरपी. लेखकान अशे तरेचे समज आपल्या तियात्रांनी पडबिंबीत केल्यात.

## 8.9 नांवां-आडनांवां

मनशाचें नांव आनी आडनांव खूब फावटीं मनशाची वळख घडयतात. मनशाच्या पुराय नांवा वयल्यान तो खंयच्या धर्माचो हें सांगपाक जाता. चड करून मनशांचीं नांवां त्या त्या समाजाचें खाशेलेपण आनी संस्कृताय जावंक पावतात. *'कायतान'* हें नांव आयकूंक आयलें म्हणटकच आमी तो क्रिस्तांव समाजाचो मनीस अशें म्हणटात. *'नायक'* हें आडनांव कानार सादलें म्हणटकच आमी तो हिंदू समाजाचो मनीस अशें म्हणटात. *'सलमान खान'* हें पुराय नांव मुसलमान धर्माचो वांगडी अशें सुचीत करता. नांवां आनी आडनांवांची ही समजणी ध्यानांत घेतली जाल्यार तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांतलीं पात्रां चड करून (अदमासान 80%) गोंयच्या क्रिस्तांव समाजाची म्हणपाचें स्पश्ट जाता. देखीक: पाद्री विगार, रापोजो, जाकी, पास्कू, फॅल्सी, नॅन्सी, कोन्सू, बारबोजा आदी. हाचे उपरांत गोंयच्या हिंदू समाजाच्या नांवांचो (अदमासान 15%) आसपाव आसा. देखीक: विनोद, बाप्पा, नितीन, चिमुलकार, विजय आदी.

तशेंच मुसलमान समाजाचीं (अदमासान 5%) पात्रां पळोवपाक मेळटात. देखीक: अब्दूल, शाहाबुद्दीन, सलीम आदी.

केश्टी आनी पुवरी आपलीं नांवां *'शॉर्ट'* करपाची चाल वापरांत घालतात हें *'गोवा.. गोईंग गॉन?'* ह्या तियात्रांत मेळटा. केश्टी आपले आवयक सांगता, "मॉम, म्हजें नांव कास्तेलिनो न्हय? आयच्या काळार येद्दीं व्हडलीं नांवां कोण दवरिना. ते खातीर कास्तेलिनो हें नांव आसा तें 'शॉर्ट' करून केश्टी केलां. आतां सगळे म्हजे फ्रॅण्ड म्हाका 'केश्टी' म्हणटात" (4/8f). असलीच चाल *'झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय'* ह्या तियात्रांत कारमीन आपणायतना दिसता (4/51,53). तशेंच *'काळोख आनी उजवाड'* ह्या तियात्रांतलें बोट्टू हें पात्र असलीच चाल पाळटा (5/19). समाजांत बदल घडत आसतात. हो बदल नांवांक पासून लागू जाता. 1980 वर्सा उपरांतच्या काळांत लांब नांवां आसतात तीं ल्हान करपाची चाल भितर सरली. हे बदलते चालीचें चित्रण कांय तियात्रांनी मेळटा.

मनशाचें नांव घेतात तेन्ना कांय जाण पयलें नांव उच्चारतात जाल्यार कांय जाण आडनांव वापरतात. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी पात्रांचीं नांवां लक्षांत घेतलीं जाल्यार असलेंच चित्रण आसा. पयल्या नांवान उच्चारपाच्यो  देखी: जाकी, नितीन, पास्कू, फॅल्सी, नॅन्सी, कोन्सू, विनोद, अब्दूल आदी. आडनांवांच्यो  देखी: रापोजो, बार्बोजा, चिमुलकार, फातरपेंकार आदी.

कांय तियात्रांनी पात्रांचीं नांवां तांच्या वायट स्वभावांचीं पडबिंबां कशीं दाखोवन त्या नांवां वयल्यान थोमणे मारिल्ले मेळटात. देखीक: *'सांखळ्यो'* ह्या तियात्रांत राजेश भानगडकार आनी सत्यवान नाडकर्णी हीं पात्रां आसात. राजेश भानगडकार हो एक व्हड बिल्डर आनी समाज सेवक कसो चित्रीत जाला. पूण ही व्यक्ती कोन्सूचें भाट

बेकायदेशीर पद्दतीन आपलें करून, त्या जाग्यार बिल्डींग उबी करपाची भानगड करता. असली भानगड करपी पात्राक *'भानगडकार'* अशें नांव दिल्लें आसा. ह्याच संबदान सत्यवान नाडकर्णी हें तलाठ्याचें पात्र. हो तलाठी राजेश भानगडकाराक नाड करणी करपाक सहकार दिता, ताका लागून मारिया तांचो वायट सबाव पळोवन म्हणटा, "भानगडकार आनी नाडकर्णी what a combination..." (2/175). ह्याच तियात्रांत हवालदाराचें नांव *'फटकिरो'* अशें आयकुपाक मेळटा. हें पात्र फटी मारता. तशेंच, *'दिता तशें घेता'* ह्या तियात्रांत *'पोनवतकार'* हें पात्र ताच्या वायट स्वभावा सयत चित्रीत जाल्लें आसा. भानगडकार, पोनवतकार आनी फटकिरो हीं आडनांवां खरेपणीं गोंयच्या समाजांतल्या मनशाचीं आडनांवां न्हय. हीं आडनांवां लेखकान टोपणनांवां कशीं वापरल्यांत.

## 8.10 नातीं आनी तांचीं नांवां

मनीस समाजांत जियेतना नात्यांच्या जाळांत जगता. नातीं तींच; पूण एका एका समाजांत वेगळीं नांवां आसतात. तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी चड करून नदरेक पडटात तीं नातीं हीं: पाय (4/6), मांय (4/6), बायल, (4/7), घोव(4/7), सासुमांय, सासुपाय (3/110), देर (4/24), इर्मांव (भाव) (4/47), बापूलभाव (1/76), भयण (4/47), भाची (4/24), तिती (4/25), व्हनी (4/47), तिया (4/25), आंकल (4/25), मेवणी (1/86), मेवणो (3/110), आदी. तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या साबार तियात्रांनी नात्यांचीं नांवां वापरल्यांत तीं गोंयच्या क्रिस्तांव समाजांत वापरांत आसात. लेखकाच्या तियात्रांत चडशीं क्रिस्तांव पात्रां आशिल्ल्यान नात्यांचीं नांवां तशीं आसात.

*'गोवा.. गोईंग.. गॉन?'* ह्या तियात्रांत केश्टी हें पात्र आपल्या बापायक म्हणटा, " कितें आसा डॅड, आयज काल ह्या संवसारांत कोण आपल्या पायक पाय म्हणोना... डॅड,

पॉप, पॉपसी अशें म्हणोन पाचारतात. त्याच खातीर आमी तुका डॅड म्हणटां” (4/6). ह्या तियात्रांतलो संवाद बदलत्या काळाचें चित्रण करता. *‘गोवा.. गोईंग.. गॉन?’* हो तोमाझिन्यु कार्दोजालो तियात्र 1990च्या काळाचो संदर्भ घेवन येता. ह्या काळाच्या अदमासाक मांय आनी पाय म्हणपाची चाल कडेक पडपाक लागिल्ली ताचेंच चित्रण लेखक करता.

## 8.11 निश्कर्श

भाशेची भक्ती ध्यानांत घेतली जाल्यार लेखकान बरयिल्ले तियात्र कोंकणी भाशाचो प्रसार करूंक सोदतात हें दिसता.

समाजा प्रमाणें खाणां-जेवणां बदलतात तांचें वास्तवीक चित्रण लेखकान आपल्या तियात्रांनी केलां.

लेखकाल्या तियात्रांत आपणायल्या ती न्हेसणाची रीत गोंयची संस्कृताय पडबिंबीत करता. तेच भाशेन त्या त्या काळार न्हेसणां संबंदीं जो बदल जाला तो तांच्या तियात्रांत दिसला.

लेखकान आपल्या तियात्रांनी साबार परंपरीक वेवसायांची दखल घेतना खास करून नुस्तें मारप हो गोंयकारांचो भोव पुर्विल्लो परंपरीक वेवसाय हें दाखोवन दिलां आनी हो वेवसाय चालू दवरप म्हणल्यार परंपरीक दायज सांबाळप अशी शिकवण तांच्या तियात्रांनी मेळटा.

गोंयांत वेगवेगळीं फेस्तां आनी परबो धर्मा प्रमाणें मनोवप जाता तें धर्माची शीम हुपून वचून गोंयकार कशे मनोवपाक लेखकाचे तियात्र प्रोत्साहीत करतात आनी अशे धर्मीक एकचाराचें नातें बांदून हाडपाचो दबाव घालतात.

गोंयांत मांडो आनी धुलपदां गावपा-नाचपाची संस्कृताय. हें संस्कृतीक दायज सदांकाळ तिगून उरचें अशी अपेक्षा तांच्या तियात्रांनी मेळटा.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी काजाराच्यो चाली-रिती आसात त्यो गोंयांत आशिल्ल्या हिंदू समाजाक लागींच्यो कश्यो दिसतात पूण त्यो क्रिस्ती समाजाच्यो म्हणपाचें थावें जाता.

तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी ज्यो मरणा संबंदींच्यो चाली-रिती आनी आचार-विचार चित्रीत केल्यात त्यो क्रिस्तांव समाजाच्यो म्हणून स्पश्ट जातात.

लेखकान गोंयच्या समाजांत भुतां विशीं जे आचार-विचार आसात ते तियात्रांनी पडबिंबीत केल्यात.

तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी सोरो पियेवपाची चाल दाखयिल्ली आसा ती बरी आनी खरी अशे तरेची प्रगटणी केल्ली दिसना आनी ना म्हणून ही चाल वायटाक पडटा असो विरोधूय केल्लो दिसना. लेखकान ही चाल फकत गोंयच्या समाजाचो एक हारसो कसो दाखयिल्ली आसा.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी मुखेलपणान गोंय, गोंयकार आनी गोंयकारपण हो विशय नियाळपाक मेळटा. गोंयच्या समाजाचें चिंतप आनी वागप ते चित्रीत करतात. मुखेलपणान तांच्या तियात्रांनी क्रिस्तांव समाजाची संस्कृती पडबिंबीत जाल्ली आसा. हाका लागून तांचे तियात्र *'गोंयच्या समाजाचो हारसो'* म्हणचे परस गोंयांतल्या *'क्रिस्तांव समाजाचो हारसो'* अशें म्हणप योग्य थारता.

तोमाझिन्यु कार्दोजालो दर एक तियात्र त्या त्या काळांतल्या गोंयचें दर्शन घडयता.

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी साबार कडेन संस्कृतायेचें चित्रण जातना चाली–रितींचेर भर घातिल्लो आसा हाचे वयल्यान तांच्या तियात्रांनी संस्कृतायेचो अभिमान दिसता.

**प्रकरण 9**

# निश्कर्श

पयल्या प्रकरणांत तोमाझिन्यु कार्दोज हांची वळख घडयतना ते कसल्या दर्ज्याचे तियात्रिस्त हाचें विश्लेशण केलां. दुसऱ्या प्रकरणांत समाज जीवन म्हणल्यार कितें तें सांगून समाज जीवनाच्या वेगवेगळया घटकांचेर उजवाड घाला. खास करून समाज जीवनाचीं खाशेलपणां नदरेक हाडल्यांत. समाजकारण, राजकारण, धर्मकारण, अर्थकारण आनी संस्कृताय हे घटक अभ्यासल्यात. तिसऱ्या प्रकरणांत समाजकारण ह्या घटकाचेर आदारीत लेखकाच्या तियात्रांनी आसपाविल्ली समाजीक बाजू चित्रीत करून तिचें विश्लेशण केलां. चवथ्या प्रकरणांत लेखकान राजकारण हो विशय हाताळ्ळा तें ध्यानांत घेवन ताचेर भाश्य केलां. पांचव्या प्रकरणांत लेखकान धर्माचें जें चित्रण केलां तें नियाळून ताचेर उजवाड घालपाचो प्रयत्न जाला. सव्या प्रकरणांत अर्थकारण ह्या घटकाचेर आदारीत लेखकान तियात्रांनी जी अर्थीक परिस्थिती उजवाडाक हाडल्या तिची चिकित्सा केल्या. सातव्या प्रकरणांत तोमाझिन्यु कार्दोजान जी संस्कृती पडबिंबीत केल्या तिची विस्कावणी केल्या. शेवटाक 'तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन' अभ्यासून निश्कर्श काडल्यात ते अशे आसात:

1964 ते 2021 वर्सा मेरेन तोमाझिन्यु कार्दोजान तियात्राचीं 17 पुस्तकां उजवाडाक हाडल्यांत ह्या पुस्तकांनी सगळे मेळून 21 तियात्र प्रकाशीत जाल्यात. आयज मेरेन तोमाझिन्यु कार्दोजा इतले तियात्र पुस्तक रुपान कोणेंच उजवाडाक हाडिल्ले नात.

तांणी चडशे तियात्र कला अकादमीचे तियात्र सर्ती खातीर बरयल्यात. 2021 वर्सा मेरेन 46 तियात्र सर्तींतल्या तांणी 32 सर्तींनी वांटो घेतला.

कला अकादमीचे तियात्र सर्तींच्या इनामांची वळेरी ध्यानांत घेतली जाल्यार तोमाझिन्यु कार्दोजान बरपावळी खातीर जितलीं इनामां जिखल्यांत तितलीं कोणेंच मेळयिल्लीं नात.

लेखकाल्या तियात्रांत मुक्ती पयलींच्या काळाचीं कांय चिन्नां पडबिंबीत जाल्यांत पूण तांचे तियात्र पुरायपणीं मुक्ती उपरांतच्या काळाचें दर्शन घडयतात. लेखकान बरयिल्लो दर एक तियात्र त्या त्या काळाचें गोंयचें दर्शन घडयता.

भाटकार-मुंडकार, बस ट्रांसपोर्ट नॅशनलायजेशन, रांपणकार-ट्रॉलर ओनर असोशिएशन, ओपिनियन पोल, राजभास आंदोलन ह्यो समाजीक घडामोडी जश्या तश्यो तांच्या तियात्रांत आयल्यात. ह्यो समाजीक घडामोडी त्या त्या काळार गोंयांत घडिल्ल्या घडितांचो उगडास करून दितात हाका लागून लेखकान चित्रीत केल्लें समाज जीवन गोंयचें समाज जीवन म्हणपाक वाव मेळटा.

समाजीक विशय अदीक प्रमाणांत आयिल्ल्या कारणान कुटुंबीक विशय कडेक पडला.

कूळ कायदो आनी मुंडकार कायदो ह्या दोनूय कायद्यांच्या संबंदान जो संघर्श गोंयच्या समाजांत जाल्लो ताचें चित्रण तियात्रांनी मेळटा.

तोमाझिन्यु कार्दोजान चित्रीत केल्ले बिगर गोंयकार कोंकणी उलोवपी आनी शाळेंत वचून कोंकणी शिकपी अशे तरेन  गोंयचे अस्मितायेचे भागिदार जाल्यात तें उगडापें जाता. तांच्या वावराचेर गोंयचो समाज अवलंबून आसा, ह्याच कारणाक लागून ते बिगर गोंयकार *'नवे गोंयकार'* म्हणून घोशीत जाल्यात तरी तांची वाड पळोवन तांचे पासून सावधान रावपाचो उलो मारला. अशे तरेन लेखकाल्या तियात्रांत बिगर गोंयकारांचें चित्रण आयलां तें गोंयचें वास्तवीक समाज जीवन म्हणप योग्य आसा.

गोंयकार परदेशांत वतात तांचें जीवन कार्दोज हांणी आपल्या तियात्रांनी पडबिंबीत केलां. 'गोंय, गोंयकार आनी गोंयकारपण' हें तांचे खातीर खूब लागींचें आसा तें दाखोवन तांकां आपल्या गोंयकारपणा विशीं अभिमान आसा तें दिसता.

लेखकान चित्रायिल्लीं 90% कुटुंबां गोंयच्या क्रिस्तांव समाजांतलीं आसात. तांच्या तियात्रांनी एकूय संयुक्त कुटुंब दिसना; पुरायपणीं विभक्त कुटुंबांचें समाज जीवन उजवाडाक आयलां. ह्या संयुक्त कुटुंबांनी मुखेलपणान एक वा दोन भुरगीं दिसतात.

घरकान्नींचीं पात्रां चडशीं हुकुमी सभावाचीं आसात जाल्यार घरकारांचीं पात्रां बायलभित्र्या सभावाचीं आसात. आवय आवयपणाचें कर्तव्य पाळटना चडशी कमी पडल्या तें नदरेक पडलां. भुरग्यांक आवय कडल्यान गुणात्मक वेळ मेळना जावन भुरगीं वायट दशेर पावतात ताचें चित्रण आयलां.

1994 वर्सा आदीं बरयिल्ल्या तियात्रांनी मोगी-मोगिकेचो विशय खूब प्रमाणांत दिसता पूण उपरांतच्या तियात्रांनी मोगाचो विशय उणो जाला वा ना जाला.

लेखकान उजवाडाक हाडिल्लो मोगी-मोगिकेचो मोग धर्मा-धर्मांचें बंधन अणभवता पूण तांचो मोग धर्मांची शीम हुपून वेता. फकत मोगी-मोगिकेचें प्रकरण आसता तेन्नाच जाती-कातीचो भेदभाव दिसता हेर कडेन हो भेदभाव कसोच दिसना. मोगी-मोगिकेचे बाबतींत मोगी चडसो गरीब कुटुंबांतलो वा सकयले जातींतलो कसो चित्रीत जाला जाल्यार मोगिका चडशी गिरेस्त कुटुंबांतली वा उंचेले जातीची कशी चित्रीत जाल्या. अशे तरेच्या मोगाक फकत चलयेच्या कुटुंबां कडल्यान आडमेळीं उबीं जातात ताचें वास्तवीक चित्रण जालां.

दादल्या स्वरुपाचीं पात्रां अस्तुरी पात्रां परस अदीक शिक्षीत आसात. दादलो कितलेच फावटीं आरेन धरिल्लो दिसता तसोच कुड्डो कसो पिंतारला. हें अशे तरेचें अपंगुळपण अस्तुरी पात्रांक लागू जाल्लें दिसना.

राजकी संदर्भांतलें समाज जीवन लेखकाल्या तियात्रांत खूब प्रमाणांत आयलां.

*'लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951'* ह्या कायद्यांत वेंचणुके संबंदींच्यो ज्यो भ्रश्ट चाली आसात त्यो तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या सगळयाच राजकी तियात्रांनी दिसतात.

लेखकान राजकारण्यांचीं अनेक रुपां प्रदर्शीत केल्यांत; तातूंतली चडशीं वायट स्वभावाचीं आसात जाल्यार कांय प्रमाणांत बऱ्या स्वभावाचीं आसात.

पवित्र सभेची शिकवण मात धर्मीक फुडाऱ्यांक राजकारणांत प्रत्यक्ष वांटो घेवपाचेर बंदी घालता पूण धर्मीक फुडाऱ्यांक समाजीक जबाबदारी आशिल्ल्या कारणान ते राजकारणांत मिसळ जातात अशें गोंयच्या समाजांत आशिल्लें चित्र दिसता.

राजकी शेत्रांतल्या तरणाट्यांच्या काळजांत देशाचो मोग दिसता आनी हीं तरणाटीं भ्रश्टाचाराक विटून ह्या वायटाचेर निशेध मारतात. हींच तरणाटीं गरज पडल्यार आपूण वेंचणूक लडोवन समाजांतलें वायट सोंपोवंक तयार आसात अशे तरेचें चित्रण लेखकान आपल्या तियात्रांत उजवाडाक हाडलां. लेखकान देख दिणी आनी आदर्श तरणाटीं दाखोवन वास्तवांत असल्या संघर्शमय तरणाट्यांची गरज आसा अशें तियात्रांच्या माध्यमांतल्यान सांगलां.

राजकी फुडारी आपल्या हातांत अधिकार आसून पासून व्यापारी वा उद्देगपती हांच्या हुकमाक बळी पडिल्लो आसा, अशे तरेचें राजकी जीवन चित्रीत जालां.

स्थलांतरीत लोक गोंयांत वेंचणुके वेळार खूब प्रभावी थारिल्ल्या कारणान मतदारसंघांत खंयचो उमेदवार जिखतलो वा हारतलो हें तांच्या मतांचेर अवलंबून आसा तें दाखोवन लेखकान गोंयचें वास्तवीक चित्र उबें केलां.

तोमाझिन्यु कार्दोजान धर्माच्या नांवान झगडीं करतात आनी धर्माच्या नांवान फुटी घालतात  तसलें समाज जीवन पडबिंबीत केलां.

धर्म म्हणल्यार दुसऱ्या धर्मांच्या मनशांक वायट करप न्हय पूण दुसऱ्या धर्मांच्या मनशां कडेन मनीसपणान जगप हें तत्व उजवाडाक हाडटना मनीसधर्माचो प्रचार केला. गोंयच्या समाजांत मनीसधर्माच्या तत्वां-मुल्यां प्रमाण कांय जाण चलतात तांचें जीवन लेखकान दर्शयलां.

देव एकूच हें सत्य लेखकाल्या तियात्रांत जाहीर जालां आनी ही तांच्या तियात्रांत पडबिंबीत जाल्ली देव संकल्पना क्रिस्ती आनी मुसलमान धर्मांचे शिकवणेक लागींची आसा. धर्म म्हणल्यार देवाचेर भावार्थ दवरचे परस तत्वां-मुल्यांची पोसवण करप हें अदीक मोलाचें अशें तियात्रांनी दाखयलां तें नियाळाक घेतलें जाल्यार आशावादी समाज जीवनाचें चिन्न दिसून येता.

धर्मांचें बंधन पार करून आंतरधर्मीक लग्नांचें जैत जाल्लें तियात्रांनी दिसून येता तें ध्यानांत घेतलें जाल्यार आंतरधर्मी लग्नाचे मानसीकताये प्रमाण चलपी समाज जीवन पडबिंबीत जाला तें थावें जाता.

हिंदू आनी क्रिस्तांव हांचीं फेस्तां म्हणचे परस गोंयचीं फेस्तां म्हणपाक तांचे तियात्र प्रवृत्त करतना गोंयचो समाज एकचारान भरिल्लो जावपाचो हावेस बाळगिला तें उगडापें जाता अशे तरेन आशावादी समाज जीवनाची अपेक्षा तांच्या तियात्रांत पडबिंबीत जाल्या.

मनीस मेले उपरांत मनशाची मनसुबी जाता ते विशींचे जे विचार तियात्रांत आयल्यात ते हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्ती धर्मांक लागींचे कशे दिसतात पूण हे विचार क्रिस्ती धर्माचे म्हणून थावे जातात.

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी संस्कार समारंभाचे देखावे येवंक नात पूण ‘बावतिज्म’ ‘पयलो कुमुन्यांव’, ‘कुमसार’, ‘संतेसांव’ आनी ‘काजार’  ह्या पांच संस्कारांचो उल्लेख मात केल्लो मेळटा. थिरावणे संस्कार वा क्रिज्म आनी देव-मुणयाऱ्यांची संस्कारणी वा ऑर्द ह्या दोन संस्कारांचो खंयच उल्लेख केल्लो मेळना. तियात्रांनी जे तरेन क्रिस्ती संस्कारांचीं चिन्नां दिसतात ते तरेन हेर धर्मांच्या संस्कारांचीं चिन्नां दिसनात.

पवित्र सभेच्या नेमांचो उगडास करून आयताराक आनी हेर नेमिल्ल्या दिसांनी लोक मिसाक वतात पूण मिसाचो खरो अर्थ जाणून घेनासतना फकत लोकांक दाखोवंचे खातीर  मिसाक वेतात तांची ढोंगी चाल तियात्रांनी उजवाडाक आयल्या. कोंकणी मनीस इंग्लीश समजनासतना इंग्लीश मिसाक वचून आपल्याक खोटी प्रतिश्ठा मेळोवन घेता तें लेखकान दाखोवन दिलां. क्रिस्ती धर्माच्या मिसा विशीं जे तरेन संदर्भ आयल्यात तशे हेर धर्मांच्या संस्कारां विशीं संदर्भ मेळनात.

लेखकान साबार तियात्रांनी पाद्रींचें जीवन चित्रीत करतना तांचे गूण आनी दोश हांचें वास्तवीक रूप सहजपणीं उजवाडाक हाडलां पूण भटाचें आनी मौलानाचें जीवन मात लेगीत दिसना.

तेर्साचें देवोसांव, आयमोरेचें देवोसांव, लादाइनीचें देवोसांव, पेरपेत सुकूर सायबिणीचें देवोसांव, गोंयच्या सायबाचें देवोसांव, खुरसाचें देवोसांव आदी, ह्या सगळया क्रिस्ती देवोसांवांचो वापर जाला तसो हेर धर्मांच्या देवोसांवांचो वापर केल्लो दिसना.

कुडीच्या फायद्याच्यो आनी आत्म्याच्या फायद्याच्यो 'दयाळ करण्यो' हांचें पालन करतलीं मनशां तांच्या तियात्रांनी खूब प्रमाणांत दिसतात.

लेखक क्रिस्ती धर्मीक समाजाचे घटक जाल्ल्यान ताणें क्रिस्ती देवोसांवांनी भरिल्लें समाज जीवन प्रदर्शीत केलां.

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांतलीं मुखेल स्थानार आशिल्लीं कुटुंबां नियाळाक घेतलीं जाल्यार उंचलो वर्ग, मध्यम वर्ग आनी सकयलो वर्ग ह्या तिनूय वर्गांचें समाज जीवन दिसलां हें खरें पूण खास करून उंचेलो वर्ग आनी सकयलो वर्ग हांचें संघर्शान भरिल्लें वास्तवीक जीवन उजवाडाक आयलां. भांडवलदार आनी कामदार वर्ग हांची संघर्शमय परिस्थिती अशे अवस्थेंत पावतली आनी तातूंतल्यान सकयलो वर्ग क्रांतीचें वारें उबयतलो अशी कार्ल मार्क्सान जी क्रांती विशीं भविश्यवाणी केल्ली ती तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी साकार जाता ती दिश्टी पडटा.

पर्यटणाक लागून गोंयची अर्थीक परिस्थिती बळिश्ट जावपाक पावता पूण गोंयचीं तरणाटीं मात माती खावपाक पावतात अशे तरेचें चित्र लेखकान पिंतारलां तशेंच *'पयश्यांची आशा आनी भुरग्यांची वायट दशा'* हेंय गोंयचें वास्तवीक जीवन तियात्राच्या माध्यामांतल्यान उजवाडाक हाडलां.

घुंवळे वखदांच्या धंद्याक लागून गोंयची अर्थीक परिस्थिती साबार वटांनी प्रभावी जाता तांचें चित्रण आयलां.

आपखोशयेन वा परिस्थितीक लागून कुडीचो वेवसाय करून समाजांत पयशे जोडटात तांचें जीवन पडबिंबीत जालां.

गोंयकार आपली अर्थीक परिस्थिती बळिश्ट करपाक परदेशांत वतात जाल्यार बिगर गोंयकार गोंयांत येवन आपली अर्थीक परिस्थिती बळिश्ट करतात तांचें जीवन लेखकान दाखयलां.

समाजाची भोव पुर्विल्ली सावकारी चाल तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी पडबिंबीत जाल्ली आसा.

लांच दिवप आनी घेवप हें जें समाजांत चालंत आसा तें लेखकान चित्रीत केलां.

वेपारी आपले पयशे जेन्ना राजकारणांत रकयतात तेन्ना राजकी मनशांक हातांच्या बोटांचेर नाचोयतात. लेखकान अशेच तरेची वास्तवीक परिस्थिती लेखकान आपल्या तियात्रांनी उजवाडाक हाडल्या.

मनशाक नोकरी मेळप म्हणल्यार मनशाची अर्थीक परिस्थिती सुधारप पूण हीच नोकरी खूब पयशे दिवन विकती घेवंची पडली जाल्यार मनशाक कसलो फायदो? अशे तरेचो प्रस्न लेखक मांडटा. नोकरे विशीं लेखकान जें समाज जीवन पडबिंबीत केलां तें भ्रश्टाचारान भरिल्लें आसा. ह्या भ्रश्टाचाराक लागून गिरेस्त मनीस गिरेस्त जायत वता तें दाखयलां तशेंच पयशे आशिल्लो पयश्यांचे आशेक लागून तत्वां-मुल्यां सांडयत चल्ला तेंय लेखकान उजवाडाक हाडलां.

तोमाझिन्यु कार्दोजान गोंयच्या समाजांत जें स्मग्लींग चलतालें तें आपल्या तियात्रांत दाखयलां. कांय मनीस ही वांकडी चाल आपणावन आपली अर्थीक परिस्थिती सुधारावंक मुखार सरतात तांचें फटींगपाणाचें जीवन लेखकान उगडापें केलां.

समाजा प्रमाणें खाणां-जेवणां बदलतात तांचें वास्तवीक चित्रण लेखकान आपल्या तियात्रांनी केलां.

लेखकाल्या तियात्रांत वापर जाल्या तें न्हेसण गोंयची संस्कृताय पडबिंबीत करता आनी तशेंच त्या त्या काळार न्हेसणां संबंदीं जो बदल जाला तो तांच्या तियात्रांनी दिसून आयला.

लेखकान आपल्या तियात्रांनी साबार परंपरीक वेवसायांची दखल घेतना कांय गोंयकार लजेक लागून असल्या वेवसायां कडल्यान पयस गेल्ले दिसतात जाल्यार कांय जाण असल्या वेवसायांचें परंपरीक दायज सांबाळून  वावुरतना दिसतात.

गोंयांत वेगवेगळीं फेस्तां आनी परबो धर्मा प्रमाणें मनोवप जाता तें धर्माची शीम हुपून वचून गोंयकार कशे मनोवपाक लेखकाचे तियात्र प्रोत्साहीत करतात आनी अशें धर्मीक एकचाराचें नातें बांदून हाडपाक बळ करतात.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी काजाराच्यो चाली-रिती आसात त्यो गोंयांत आशिल्ल्या क्रिस्ती समाजाच्यो म्हणपाचें थावें जाता.

तांणी आपल्या तियात्रांनी ज्यो मरणा संबंदींच्यो चाली-रिती आनी आचार-विचार चित्रीत केल्यात त्यो क्रिस्तांव समाजाच्यो हें स्पश्ट जाता.

लेखकान गोंयच्या समाजांत भुतां विशीं जे आचार-विचार आसात ते आपल्या तियात्रांत पडबिंबीत केल्यात.

तोमाझिन्यु कार्दोजान आपल्या तियात्रांनी सोरो पियेवपाची चाल दाखयिल्ली आसा ती गोंयच्या समाजाचो एक हारसो कसो दाखयिल्ली आसा.

तोमाझिन्यु कार्दोजाल्या तियात्रांनी साबार कडेन संस्कृतायेचें चित्रण जातना चालीं-रितींचेर भर घाल्लो आसा, हाचे वेल्यान तांचे तियात्र संस्कृतायेचो अभिमान राखपी अशें दिसता.

तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या तियात्रांनी मुखेलपणान गोंय, गोंयकार आनी गोंयकारपण हो विशय नियाळपाक मेळटा. गोंयच्या समाजाचें चिंतप आनी वागप ते चित्रीत करतात. मुखेलपणान तांच्या तियात्रांनी क्रिस्तांव समाजाची संस्कृताय पडबिंबीत जाल्ली आसा. हाका लागून तांचे तियात्र *'गोंयच्या समाजाचो हारसो'* म्हणचे परस *'क्रिस्तांव समाजाचो हारसो'* अशें म्हणप अदीक युक्त थारता.

'तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या वेंचीक तियात्रांतलें समाज जीवन' हो माथाळो अभ्यासतना ह्या विशयाची खोलाय फुडल्या अभ्यासाक वाट उकती करता ती अशी:

- तियात्रांचो भाशीक नदरेंतल्यान अभ्यास.
- तियात्रांत आयिल्ल्या विचारांचें विश्लेशण.
- तियात्रांतली अस्तुरी-दादल्याची प्रतिमा.
- तियात्रांत आसपाविल्ल्या पात्रांचें मानसशास्त्रीय अध्ययन.

# संदर्भ वळेरी

## देवनागरी लिपयेंतली

आहुजा, राम., आनी मुकेश आहूजा. *समाजशास्त्र: विवेचना एवं परिप्रेक्ष्य*. रावत पब्लिकेशन्स, 2017.

कार्दोजो, तोमाझिन्यु. *तियात्र* (म्होंवाळ विख आनी समाज सेवा). अमर प्रकाशन, 1992.

---. *जीण*. अमर प्रकाशन, 1990.

---.खाजगी मुलाखत. कांदोळी बार्देस गोंय. 9 जानेवारी, 2018.

---. खाजगी मुलाखत. कांदोळी बार्देस गोंय. 27 फेब्रुवारी, 2018.

---. खाजगी मुलाखत. कांदोळी बार्देस गोंय. 20 मार्च, 2018.

---. खाजगी मुलाखत. कांदोळी बार्देस गोंय. 22 एप्रील, 2018.

---. खाजगी मुलाखत. कांदोळी बार्देस गोंय. 02 मे, 2018.

---. खाजगी मुलाखत. कांदोळी बार्देस गोंय. 17 जून, 2018.

---. खाजगी मुलाखत. कांदोळी बार्देस गोंय. 15 जुलय, 2018.

---. खाजगी मुलाखत. कांदोळी बार्देस गोंय. 12 ऑगस्ट, 2018.

---. खाजगी मुलाखत. कांदोळी, बार्देस गोंय. 02 सेप्टंबर, 2018.

गॉमीश, लुईस. “कोंकणी नाटक आनी तियात्र : कांय वेगळेपणां.” *ज्योत - कोंकणी सोद पत्रिका* [सेंट झेवियर्स महाविद्यालय म्हापशें गोंय], अंक 01, फेब्रुवारी 2018, पानां 34-38.

थळी प्रकाश. तियात्राचो इतिहास. पणजी गोंय: गोवा कोंकणी अकादेमी,1993.

पवित्र पुस्तक: नवो करार. लिप्यांतरावपी: दिलीप बोरकार. गोंयची सेवाधर्मीक समिती, 1974.

फेर्नांदीश, विल्यम. खासगी मुलाखत. 07 जानेवारी 2018.

मायी, सुनील. *समाजशास्त्राची ओळख*. प्रशांत पब्लिकेशन, 2002.

मोरास, पावलू. *खेळ राजांव*. पडवळ प्रकाशन, 2013.

लोक प्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951. भारत सरकार प्रकाशन, 2004.

सरदेसाय, मनोहरराय. *प्रस्तावना*. प्रकाश थळी हांचें पुस्तक, *तियात्राचो इतिहास*, गोवा कोंकणी अकादेमी, 1993, पानां 5-6.

---. *कोंकणी विश्वकोश (खंड पयलो)*. ताळगांव गोंय: गोवा विश्वविद्यालय, 1991.

सिंहल, शिशिभुषण. हिंदी उपन्यास की प्रवृत्तियॉं

**रोमी लिपयेंतली**

“Anna Hazare’s call on 'right to reject' and 'right to recall' rekindled debate over electoral concepts.” The Economic Times. 29 Aug.2011, economictimes.indiatimes.com/news/politics-and-nation/anna-hazares-call-on-right-to-reject-and-right-to-recall-

rekindled-debate-over-electoral-concepts/articleshow/9775883.cms.

Borges, Charles. "The Changing Faces of Christianity in Goa. From Being Portuguese to Being Indian ?." Persee. 2000, www.persee.fr/doc/luso_1257-0273_2000_num_7_1_1388.

"Can a Brahmin girl marry a non-Brahmin boy?" Quora. www.quora.com/Can-a-Brahmin-girl-marry-a-non-Brahmin-boy.

"College girls by day, sex workers by night!." Times of India. timesofindia.indiatimes.com/life-style/spotlight/College-girls-by-day-sex-workers-by-night/articleshow/24738353.cms.

"Curchorem-Sanvordem riot accused acquitted." Times of India. 18 April 2012, timesofindia.indiatimes.com/city/goa/curchorem-sanvordem-riot-accused-acquitted/articleshow/12711854.cms.

Cardozo, Tomazinho. "Mhonvall Vikh." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (1)*, Omor Prokaxon, 2011.

---. "Somaz Seva." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (1)*, Omor Prokaxon, 2011.

---. "Utram ani Kornneyom." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (1)*, Omor Prokaxon, 2011.

---. "Hellow Uncle." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (1)*, Omor Prokaxon, 2011.

---. "Kanttech Kantte." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (2)*, Tiatr Academy Of Goa, 2011.

---. "Ontoskorn ani Kaido." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (2)*, Tiatr Academy of Goa, 2011.

---. "Orth." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (2)*, Tiatr Academy of Goa, 2011.

---. "Sankhlleo." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (2)*, Tiatr Academy Of Goa, 2011.

---. "Bhurgim Amchim Girestkai." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (3)*. Omor Prokaxon, 2011.

---. "Aicho Somaz." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (3)*. Omor Prokaxon, 2011.

---. "Dita Toxem Gheta." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (3)*. Omor Prokaxon, 2011.

---. "Novi Dixa." *Tiatr Goychea Somazacho Arso (3)*. Omor Prokaxon, 2011.

---. “Goa.. Going.. Gone?.” *Tiatr Goychea Somazacho Arso (4)*. Omor Prokaxon, 2014.

---. “Zhogzhogta Titleim Bhangar Nhoi.” *Tiatr Goychea Somazacho Arso (4)*. Omor Prokaxon, 2014.

---. “Ami Soglle Ek.” *Tiatr Goychea Somazacho Arso (4)*. Omor Prokaxon, 2014.

---. “Eksiddentt.” *Tiatr Goychea Somazacho Arso (4)*. Omor Prokaxon, 2014.

---. “Kallokh ani Uzvadd.” *Tiatr Goychea Somazacho Arso (5)*. Omor Prokaxon, 2014.

---. “Ixtt.” *Tiatr Goychea Somazacho Arso (5)*. Omor Prokaxon, 2014.

---. “Hanvuch To.” *Tiatr Goychea Somazacho Arso (5)*. Omor Prokaxon, 2014.

---. “Inspector.” *Tiatr Goychea Somazacho Arso (5)*. Omor Prokaxon, 2014.

---. *Polloilam tem Boroilam*. Omor Prokaxon, 2008.

---. *Polloilam tem Boroilam 2*. Omor Prokaxon, 2011.

---. *Mhojem Goy Mhoje vichar*. Omor Prokaxon, 2017.

---. *My Journey*. Omor Prokaxon, 2007.

---. *As I See It*. Omor Prokaxon, 2008.

---. *Mhozo Bhav Joao de Deus Cardozo*. Omor Prokaxon, 2019.

---. *Our Efforts At Improving The Tiatr Stage*. Kala Mogi (magazine: Silver Jubilee), 2005, pgs. 51-53.

---. "Odheoxachim don utram." Domnic Coelho hanchem Pustok, *Uzvaddant Kallokh*, Tiatr Academy Goa, 2011. panam vii-x.

---. *Inspector*. Omor Prokaxon, 1987.

---. *Tiatr Goychea Somazacho Arso - 3*. Omor Prokaxon, 2011.

---. *Kallokh Ani Uzvadd*. Omor Prokaxon, 1987.

---. *Tiatr Goychea Somazacho Arso - 2*. Tiatr Academy Of Goa, 2011.

---. *Tiatr Goychea Somazacho Arso -1*. Omor Prokaxon, 2011.

---. *Zhogzhogta Titleim Bhangar Nhoi*. Omor Prokaxon,1988.

---. *Bhurgem Jivit*. Tiatr Academy Of Goa, 2011.

---. *Ami Soglle Ek*. Goa Konkani Academy, 2006.

---. *Tiatr Goychea Somazacho Arso -4*. Omor Prokaxon, 2014.

---. *Tiatr Goychea Somazacho Arso -5*. Omor Prokaxon, 2014.

---. *Bhurgim Amchi Girestkai*. Omor Prokaxon, 1987.

---. *Ontoskorn ani Kaido*. Omor Prokaxon, 1987.

---. *Aicho Somaz*. Omor Prokaxon, 1987.

---. *Utram Ani Kornneo*. Omor Prokaxon, 1981.

---. *Tiatr Machier*. Omor Prokaxon, 1982.

---. *Manddo Goemchem Lok Git*. Omor Prokaxon, 1992.

---. *Jhelo*. Omor Prokaxon, 1985.

---. *Mahan Mhozo Des*. Omor Prokaxon, 2010.

---. *Kolakarak Bhett*. Tiatr Academy Goa, 2017.

---. *Ekanki Nattkulim*. Omor Prokaxon, 1989.

---. *Thembe*. Omor Prokaxon, 1984.

---. *Pakhlleo*. Omor Prokaxon, 1986.

---. *Kanttech Kantte*. Omor Prokaxon, 1980.

Cardozo, Tomazinho.,Fernandes, John C, editors. *Silver Jubilee of Tiatr Competition*. Kala Academy, 2000.

Cardozo, Tomazinho., et al, editors. *Tiatr 125th Anniversary Commemorative Volume*. Tiatr Academy of Goa, 2019.

Census 2011. www.census2011.co.in/census/state/goa.html.

Chaubey, Abhikshek. “Udta Punjab.” Wikipedia. en.wikipedia.org/wiki/Udta_Punjab.

“Christianity in Goa.” Wikipedia. en.wikipedia.org/wiki/Christianity_in_Goa.

Da Costa, Fausto. *Tiatr Ani Tiatrist*. The Goan Review Publications, 1994.

Dalgado, Sebastiao Rodolpho. *Diccionario Portuguez Komkani*. New Delhi : Asian Educational Service, 1905.

Das, Kumudin., et al. “Dynamics of inter-religious and inter-caste marriages in India.” paa2011.princeton.edu/papers/111281.

D’Cruz, Sharon., and Raikar Avinash. “Ramponkars in Goa Between Modernisation, Government and the Deep Blue Sea.” Gstor,15 May 2004. www.jstor.org/stable/4415030?seq=1#metadata_info_tab_contents.

Desousa, Shaila. “A situational Analysis of Women in Goa.” irgu.unigoa.ac.in/drs/bitstream/handle/unigoa/1815/Situational_Anal_Women_Goa_119.pdf?sequence=1&isAllowed=y.

"Did the British PM's visit to Goa in 1983 give boost to tourism?." Itsgoa. itsgoa.com/did-the-british-pms-visit-to-goa-in-1983-give-boost-to-tourism/.

Fernandes, Andre Rafael. *When the Curtains Rise*. Panjim Goa : Tiatr Academy Of Goa, 2010.

Fernandes, Carlos. Preface. *Tiatro Machi Part -1*, Krishnadas Shama Goa State Central Library, 2017, p. ii.

Fernandes, John Claro. *Stalwarts Of The Tiatr Stage*. Omor Prokaxon, 2020.

Flannery, Austin, General Editor. "Gaudium et Spes." *Vatican Council II.* St. Paul's Publication, 1997.

Giddings, F.H. Principles of Sociology.

"Goa women top higher education enrolment." Digital Learning, 8 Oct. 2012. digitallearning.eletsonline.com/2012/10/goa-women-top-higher-education-enrolment/.

"The Goa, Daman and Diu Mundkars (Protection from Eviction) Act, 1975)." www.bareactslive.com/GOA/GOA049.HTM.

"The Goa Mundkars (Protection from eviction) (Amendment) Bill, 2009." goalawcommission.gov.in/reports/report1-amendment.pdf.

"Gold Smuggling: Customs watch air, sea routes" Herald Newspaper. 23 Aug. 2013.

Grace, Jolliffe. "Bailancho Saad: Fighting Patriarchy in Goa, One Issue at a Time." Video Volunteers Empowering Community Voices, 15 April 2019. www.videovolunteers.org/bailancho-saad-fighting-patriarchy-in-goa-one-issue-at-a-time/.

Gracias, Fatima. "Goans away from Goa. Migration to the Middle East." Persee. www.persee.fr/doc/luso_1257-0273_2000_num_7_1_1386#:~:text=In%20India%2C%20Goans%20migrated%20primarily,Africa%20concentrated%20around%20East%20Africa11.&text=According%20to%20an%20estimate%20of,were%20both%20Hindus%20and%20Christians.

Guessabi, Fatiha. "Blurring the Line between Language and Culture." Language Magazine. www.languagemagazine.com/blurring-the-line-between-language-and-culture/.

"Inter-caste marriages see a rise in State." O Heraldo, 14 Sept. 2017, www.heraldgoa.in/Goa/Intercaste-marriages-see-a-rise-in-State/120061.

John and Lio. International Dictionary of Thoughts.

Kale, Pramod. *Essentialist and Epocalist elements in Goan Popular Culture*. Poona, 1986.

Kamat, Nandkumar. "An Epistemological Interpretation of Tiatr: The Popular Konkani Medium for Folk Catharsis." Rupea Utsov [Kala Mogi], 28 Feb, 2005. pp. 23-26.

Kokoy John. *Tiatr Palkhache Khambe*. Panjim Goa: Queeny Production And Publication, 2010.

Kolakarak Bhett. Tiatr Academy Goa, 2017.

Lognachi Rit. The Regional Liturgical Commission for Konkani, 1971.

Mazarelo, Sharon. "Konkani Tiatro: An Unrecognized Industry." *Rupea Utsov* [Kala Mogi], 28 Feb, 2005. p. 50.

Mazarello, Wilmix Wilson. *100 Years of Konkani Tiatro*. Panjim Goa : Directorate Of Art And Culture, 2000.

Menezes, Walter. *Speaking Out the life and times of Tomazinho Cardozo*. Broadway Publishing House, 2021.

"Nuclear family trend catching up in Goa: Census." Oneindia, 4 Feb. 2011. www.oneindia.com/2011/02/04/nuclearfamily-trend-catching-up-in-goacensus-aid0126.html.

Pereira, Queency. "Evolution growth and today's scenario of Mundkar system of Goa." www.grkarelawlibrary.yolasite.com/resources/FM-Jul14-LSC-Quency.pdf.

Pereira,Vitorino. *Fell vo Khell*. Ponnji Goy : Tiatr Academy Of Goa, 2011.

Povitr Pustok. Chittnis Fr. Manuel Gomes. Povitr Pustokachea Vavrachi Goychi Dhormprantik Somiti, 2006.

Rao, C.N. Shankar. *Sociology: Principles of Sociology with an introduction to Social Thought*. S. Chand Publication, 2014.

"Report No.1. Mundkar Legislation." goalawcommission.gov.in/reports/report1.pdf.

"Report No.2 Agricultural tenancy Act." goalawcommission.gov.in/reports/report2.pdf.

"Right to Vote and Right to Reject all Candidates in Election." Helpline Law Legal Solutions Worldwide. www.helplinelaw.com/business-law/RTOR/right-to-vote-and-right-to-reject-all-candidates-in-elections.html.

Sardesai, Madhavi. "Mother Tongue Blues." india-seminar.com/2004/543/543%20madhavi%20sardesai.htm.

Soni, Maneesh. “Society.” Shabdkosh English Konkani Dictionary and Translation. www.shabdkosh.com/searchdictionary?lc=kok&sl=en&tl=kok&e=%E0%A4%B8%E0%A4%AE%E0%A4%BE%E0%A4%9C. Accessed 04 June 2021.

---. “Life.” Shabdkosh English Konkani Dictionary and Translation. www.shabdkosh.com/search-dictionary?lc=kok&sl=en&tl=kok&e=life Accessed 04 June 2021.

Talule, Dynandev., and Naik, Guruprasad. “Overall impacts of mining on the state economy of goa: a comparative perspective of pre and post mining ban periods.” Asian Journal of Science and Technology. www.journalajst.com/overall-impacts-mining-state-economy-goa-comparative-perspective-pre-and-post-mining-ban-periods.

Thali, Prakash G. *English Konkani Dictionary*. Panaji Goa : Rajhauns, 2003.

“2011 Indian anti-corruption Movement.” Wikipedia, en.wikipedia.org/wiki/2011_Indian_anti-corruption_movement.

Sharma, Ravi. "Crackdown on a Beach." Frontline. 30 July 2004, frontline.thehindu.com/social-issues/article30223804.ece.

Sovacool, Benjamin. "There will be no water by 2040 if we keep doing what we're doing today." The World Counts. www.theworldcounts.com/challenges/planet-earth/freshwater/when-will-the-world-run-out-of-water/story.

Venkatesh, Karthik. "Konkani vs Marathi: Language battles in golden Goa." Mint. 5 Aug. 2017, www.livemint.com/Sundayapp/yO371luBUKFCjhQouRcBCK/Konkani-vs-Marathi-Language-battles-in-golden-Goa.html.

"What is Social Class?." udel.edu/~cmarks/What%20is%20social%20class.htm.

"Why did God make most of the water on Earth undrinkable?." Quora. 2018, www.quora.com/Why-did-God-make-most-of-the-water-on-Earth-undrinkable.

"Why doesn't the government build something like a school or hospital on the Ram temple ground in Ayodhya?." Quora. 2015, www.quora.com/Why-doesnt-the-government-build-something-like-a-school-or-hospital-on-the-Ram-temple-ground-in-Ayodhya.

# परिशिश्टां

## 1. तोमाझिन्यु कार्दोजान बरयिल्ले तियात्र

| क्र | तियात्राचें नांव | वर्स |
|---|---|---|
| 1 | खाशा भयण | 1964 |
| 2 | घरजांवय | 1966 |
| 3 | काळजीदार वो XX 303 | 1968 |
| 4 | समाजाचो हेरदेरी | 1970 |
| 5 | इन्स्पॅक्टर | 1974 |
| 6 | आयचो समाज | 1975 |
| 7 | इश्ट | 1976 |
| 8 | अपराधी | 1972 |
| 9 | काळोख आनी उजवाड | 1977 |
| 10 | मनीसपण | 1977 |
| 11 | हांवूच तो | 1978 |
| 12 | अंतस्कर्ण आनी कायदो | 1979 |
| 13 | कांटेच कांटे | 1980 |

| | | |
|---|---|---|
| 14 | उतरां आनी करण्यो | 1981 |
| 15 | भुरगीं आमची गिरेस्तकाय | 1985 |
| 16 | झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय | 1986 |
| 17 | दिता तशें घेता | 1987 |
| 18 | ओ के बाय बाय..(गोवा.. गोईंग.. गॉन?) | 1988 |
| 19 | म्होंवाळ वीख | 1989 |
| 20 | समाज सेवा | 1990 |
| 21 | जिविताचो उजवाड | 1991 |
| 22 | भुरगें जिवीत | 1991 |
| 23 | आमी सगळे एक | 1993 |
| 24 | सांता क्लारा दुर्बळांची राणी | 1994 |
| 25 | सांखळ्यो | 1998 |
| 26 | हॅलो आंकल | 1999 |
| 27 | अर्थ | 2000 |
| 28 | एक्सिडण्ट | 2010 |
| 29 | काल आनी आयज | 2011 |

| | | |
|---|---|---|
| 30 | आन्नाडी | 2011 |
| 31 | मांय म्हाका घरा व्हर | 2012 |
| 32 | नोवी दिशा | 2012 |
| 33 | नीत अनीत | 2013 |
| 34 | आम आदमी | 2014 |
| 35 | विवा लंडन | 2015 |
| 36 | बरोयणार | 2016 |
| 37 | हॅलो डॉक्टर | 2017 |
| 38 | एस सर | 2018 |
| 39 | अशेंय घडों येता | 2019 |
| 40 | जिविताची वाट | 2021 |

## 2. तोमाझिन्यु कार्दोज हांच्या पुस्तकांची वळेरी

| क्र. | तियात्राचें नांव | वर्स | साहित्य प्रकार |
|---|---|---|---|
| 1 | कांटेंच कांटें | 1980 | तियात्र |
| 2 | उतरां आनी कोरण्यो | 1981 | तियात्र |
| 3 | तियात्र माचयेर i. इश्ट ii. हांवूच तो | 1982 | तियात्र |
| 4 | थेंबे | 1984 | कांतारां |
| 5 | मांडो गोंयचें लोकगीत | 1984 (2000) | कांतारां |
| 6 | झेलो | 1985 | कथा |
| 7 | पाकळ्यो | 1986 | कविता |
| 8 | इन्स्पॅक्टर | 1987 | तियात्र |
| 9 | आयचो समाज | 1987 | तियात्र |
| 10 | काळोख आनी उजवाड | 1987 | तियात्र |
| 11 | अंतस्कर्ण आनी कायदो | 1987 | तियात्र |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 12 | भुरगीं आमची गिरेस्तकाय | 1987 | तियात्र |
| 13 | झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय | 1988 | तियात्र |
| 14 | एकांकी नाटकुलीं | 1989 | एकांकी |
| 15 | जीण (रोमी आनी देवनागरी) | 1990 | कविता |
| 16 | तियात्र: म्होंवाळ वीख + समाज सेवा | 1992 | तियात्र |
| 17 | आमी सगळे एक | 2006 | तियात्र |
| 18 | My Journey | 2007 | निबंद |
| 19 | पळयलां तें बरयलां | 2008 | निबंद |
| 20 | As I See It (2008) | 2008 | निबंद |
| 21 | महान म्हजो देश (रोमी आनी देवनागरी) | 2010 | कांतारां |
| 22 | पळयलां तें बरयलां -2 | 2011 | निबंद |
| 23 | भुरगें जिवीत | 2011 | तियात्र |
| 24 | तियात्र गोंयच्या समाजाचो हारसो -1 | 2011 | तियात्र |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 25 | तियात्र गोंयच्या समाजाचो हारसो -2 | 2011 | तियात्र |
| 26 | तियात्र गोंयच्या समाजाचो हारसो -3 | 2011 | तियात्र |
| 27 | तियात्र गोंयच्या समाजाचो हारसो -4 | 2014 | तियात्र |
| 28 | तियात्र गोंयच्या समाजाचो हारसो -5 | 2014 | तियात्र |
| 29 | म्हजें गोंय... म्हजे विचार... | 2017 | निबंद |
| 30 | म्हजो भाव जुआंव द देऊश कार्दोज | 2019 | चरित्र |

## 3. तोमाझिन्यु कार्दोजाक कला अकादमी तियात्र सर्तींत मेळिल्लीं इनामां

| क्र | तियात्राचें नांव | वर्स | दाखोवणेक इनाम | दिग्दर्शनाक इनाम | लिखिताक इनाम |
|---|---|---|---|---|---|
| 1 | इन्स्पॅक्टर | 1974 | तिसरें | पयलें | ---- |
| 2 | आयचो समाज | 1975 | पयलें | दुसरें | दुसरें |
| 3 | इश्ट | 1976 | तिसरें | ----- | दुसरें |
| 4 | काळोख आनी उजवाड | 1977 | पयलें | पयलें | दुसरें |
| 5 | हांवूच तो | 1978 | तिसरें | तिसरें | दुसरें |
| 6 | अंतस्कर्ण आनी कायदो | 1979 | पयलें | पयलें | दुसरें |
| 7 | कांटेच कांटे | 1980 | पयलें | पयलें | ---- |
| 8 | उतरां आनी करण्यो | 1981 | पयलें | पयलें | पयलें |
| 9 | (वांटेकार जावंक ना) | ----- | ----- | ----- | ---- |
| 10 | (वांटेकार | ----- | ----- | ----- | ---- |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | जावंक ना) | | | | |
| 11 | (वांटेकार जावंक ना) | ----- | ----- | ----- | ---- |
| 12 | भुरगीं आमची गिरेस्तकाय | 1985 | तिसरें | पयलें | ---- ---- |
| 13 | झोगझोगता तितलेंय भांगार न्हय | 1986 | पयलें | पयलें | पयलें |
| 14 | दिता तशें घेता | 1987 | दुसरें | दुसरें | पयलें |
| 15 | ओ के बाय बाय | 1988 | दुसरें | दुसरें | ---- |
| 16 | म्होंवाळ वीख | 1989 | पयलें | पयलें | पयलें |
| 17 | समाज सेवा | 1990 | दुसरें | दुसरें | पयलें |
| 18 | जिविताचो उजाड भुरगें जिवीत | 1991 1991 | ---- | ----- | ---- |
| 19 | आमी सगळे एक | 1993 | दुसरें | दुसरें | --- |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| 20 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 21 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 22 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 23 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 24 | सांखळ्यो | 1998 | ----- | ----- | ---- |
| 25 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 26 | अर्थ | 2000 | उमेद वाडोवपी | ----- | दुसरें |
| 27 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ---- | ----- | ---- |
| 28 | (वांटेकार जावंक ना) | --- | ----- | ----- | ---- |
| 29 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| 30 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 31 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 32 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 33 | (वांटेकार जावंक ना) | ---- | ----- | ----- | ---- |
| 34 | अदृश्टी जिवीत | 2008 | ----- | ----- | ---- |
| 35 | एक्सिडण्ट | 2010 | पयलें | पयलें | ---- |
| 36 | काल आनी आयज | 2011 | ----- | ----- | दुसरें |
| 37 | (वांटेकार जावंक ना) | | ----- | ---- | ---- |
| 38 | नवी दिशा | 2012 | ----- | ----- | ---- |
| 39 | नीत अनीत | 2013 | उमेद वाडोवपी | ----- ---- | पयलें |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| 40 | आम आदमी | 2014 | ----- | ---- | पयलें |
| 41 | विवा लंडन | 2015 | तिसरें | ---- | --- |
| 42 | बरोयणार | 2016 | ----- | ---- | पयलें |
| 43 | हॅलो डॉक्टर | 2017 | ---- | ---- | ---- |
| 44 | एस सर | 2018 | ----- | ---- | ---- |
| 45 | अशेंय घडों येता | 2019 | ---- | ---- | ---- |
| 46 | जिविताची वाट | 2021 | तिसरें | ---- | ---- |

**4. तोमाझिन्यु कार्दोज हांकां प्राप्त जाल्ले पुरस्कार**

| **क्र** | **वर्स** | **पुरस्कार** | **कृती** | **क्षेत्र** | **संस्था** |
|---|---|---|---|---|---|
| 1 | 1979 | मांडो पुरस्कार | मांडो | मांडो | गोवा कलचरल एण्ड सोशल सॅण्टर पणजी-गोंय |
| 2 | 1982 | साहित्यीक पुरस्कार | पुस्तक -कांटेच कांटे | साहित्य | कला अकादमी पणजी-गोंय |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| 3 | 1983 | साहित्यीक पुरस्कार | पुस्तक -उतरां आनी करण्यो | साहित्य | कोंकणी केंद्र म्हापशें-गोंय |
| 4 | 1985 | सर्गेस्त नरेंद्र सांवडेंकार साहित्य पुरस्कार | - - - | साहित्य | कोंकणी भाशा मंडळ मडगांव-गोंय |
| 5 | 1986 | साहित्यीक पुरस्कार | मांडो | साहित्य | कोंकणी केंद्र म्हापशें-गोंय |
| 6 | 1987 | साहित्यीक पुरस्कार | पुस्तक -थेंबे | साहित्य | कला अकादमी पणजी-गोंय |
| 7 | 1988 | साहित्यीक पुरस्कार | पुस्तक - पाक ळ्यो | साहित्य | कोंकणी केंद्र म्हापशें-गोंय |
| 8 | 1990 | गुलाब पुरस्कार | तियात्र-झगझग ता तितलें भांगर | तियात्र | गुलाब पणजी-गोंय |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | | | न्हय | | |
| 9 | 1991 | योगदान पुरस्कार (भोवमान पुरस्कार) | - - - - | मांडो | गोंय टपाल |
| 10 | 1991 | आवटस्टॅंडींग फुटबॉलर ऑफ यॅस्टर इयर्स (भोवमान पुरस्कार) | - - - - | क्रिडा | कांदोळे स्पोर्टस् क्लब, कांदोळे -गोंय |
| 11 | 1993 | आंतोन पॅरैरा कोंकणी पुरस्कार | - - - - | साहि त्य | थॉमस स्टिफन्स कोंकणी केंद्र परवरी-गोंय |
| 12 | 1994 | उत्कृश्ट सरपंच पुरस्कार | - - - - | सरपंच | गोंय सरकार |
| 13 | 2002 | योगदान पुरस्कार | - - - | शिक्षण | आर्च डायोसिजन बोर्ड ऑफ |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | | | - | | एड्युकेशन बॅंगलोर-कर्नाटक |
| 14 | 2003 | राज्य शिक्षण पुरस्कार | - - - - | शिक्षण | गोंय सरकार |
| 15 | 2004 | भोवमान(शिक्षणाचो राज्य पुरस्कार) | - - - - | शिक्षण | सेंट. बार्थोलोंब्यो माध्यमीक विद्यालय शेरांव-गोंय |
| 16 | 2005 | सेवा समर्पण पुरस्कार | - - - - | शिक्षण | डायोसिजन सोसायटी ऑफ एड्युकेशन, पणजी-गोंय |
| 17 | 2005 | शणै गोंयबाब पुरस्कार 2004 | - - - - | पत्रकारिता | वावराड्यांचो इश्ट |
| 18 | 2007 | योगदान | - | कला | जायण्ट्स |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | | पुरस्कार | -<br>-<br>- | आनी संस्कृ ती | आंतराष्ट्रीय म्हासंघ |
| 19 | 2009 | राज्य साहित्य पुरस्कार | -<br>-<br>-<br>- | साहि त्य | गोंय सरकार |
| 20 | 2011 | गोवन ऑफ ध इयर | -<br>-<br>-<br>- | लेखक, पत्रकार , तियात्रिस्त, गीतकार, गायक आदी. | फॅडरेशन ऑफ ऑल गोवा सोशल कलचरल एण्ड लिटररी ऑर्गनायजेशन |
| 21 | 2012 | योगदान पुरस्कार | तियात्र | तियात्र | तियात्र अकादमी पणजी-गोंय |
| 22 | 2015 | दाल्गादो साहित्य पुरस्कार | -<br>-<br>- | साहि त्य | दाल्गादो कोंकणी अकादेमी |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | | | - | | पणजी-गोंय |
| 23 | 2016 | सम्राट रंग भुमी पुरस्कार | तियात्र | तियात्र | सम्राट क्लब म्हापशें-गोंय |
| 24 | 2018 | योगदान पुरस्कार | - - - - - | कला, संस्कृती, शिक्षण, क्रिडा, समाज आदी | दलीत सेवा संघटना गोंय |
| 25 | 2018 | राज्य शांतताय पुरस्कार- उत्कृश्ट दुरदृष्टी पुरस्कार | - - - - | | फा. आग्नेल कॉलेज ऑफ आर्टस् पिलार-गोंय |
| 26 | 2018 | उत्कृश्ट गीतकार (गोंय राज्याचो णववो चलचित्र | गीत | कोंकणी चलचित्र | एण्टरटेनमॅण्ट सोसायटी गोंय |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | | उत्सव) | | | |
| 27 | | उत्कृश्ट मांडो गीतकार | गीत | मांडो | गोवा कलचरल एण्ड सोशल सॅण्टर पणजी-गोंय |
| 28 | | मांडो पुरस्कार | मांडो | मांडो | |

**5. तोमाझिन्यु कार्दोज हांचो  सत्कार आनी भोवमान**

| क्र. | वर्स | सत्कार | संस्था |
|---|---|---|---|
| 1 | 1991 | (आमी सगळे एक)<br>तियात्राक दिल्ल्या योगदाना खातीर | कला मोगी, कांदोळे - गोंय |
| 2 | 1992 | योगदाना खातीर | पणजी शिगमो उत्सव समिती,<br>पणजी-गोंय |
| 3 | 1992 | योगदाना खातीर<br>(तियात्राची 100 वर्सां) | गोवा कोंकणी अकादमी, पणजी-गोंय |
| 4 | 1994 | कांदोळे गांवाक दिल्ल्या योगदाना खातीर | कांदोळे  असोसियेशन, कांदोळे -गोंय |
| 5 | 1995 | गोंय विधान सभेचे सभापती आशिल्ल्यान | गोवा हेडमास्टर्स असोसिएशन, पणजी- |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | | | गोंय |
| 6 | 1995 | योगदाना खातीर | गोवा कल्चरल एण्ड सोशल सॅण्टर पणजी-गोंय |
| 7 | 1995 | स्तुती करपाच्या हेतून | ध फ्रान्सिस्कन फॅमिलीज ईन गोवा, पणजी-गोंय |
| 8 | 1995 | गोल्डन जुब्लीच्या निमतान | गोवा हेडमास्टर्स असोसिएशन, पणजी-गोंय |
| 9 | 1995 | सरपंच ह्या पदार वावर केल्ल्यान | कर्नाटक विधान सभा |
| 10 | 1995 | 29 साव्या मांडो उत्सवा निमतान | गोवा कल्चरल एण्ड सोशल सॅण्टर पणजी-गोंय |
| 11 | 1996 | सभापतीच्या हुद्द्यार वावर केल्ल्यान | मध्य प्रदेश विधानसभा |
| 12 | 1996 | योगदाना खातीर | त्रिवेणी संगम, फोंडें-गोंय |
| 13 | 1996 | योगदाना खातीर | श्री शारदा इंग्लीश माध्यमीक विद्यालय, सावोर्डे-गोंय |
| 14 | 1996 | सभापतीच्या हुद्द्यार वावर केल्ल्यान | दिल्ली विधान सभा |
| 15 | 1997 | वरिश्ठ विधीमंडळाचे वांगडी | गोंय विधान सभा, |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | | आसतना, गोंयकारांची सेवा केल्ल्यान | पणजी-गोंय |
| 16 | 1997 | गोंय विधान सभेचे सभापती आशिल्ल्यान | उत्तर प्रदेश विधान सभा |
| 17 | 2000 | रुप्या महोत्सवा निमतान | माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण, गोवा बोर्ड, परवरी-गोंय |
| 18 | 2000 | योगदाना खातीर (तियात्र स्पर्धेच्या रुप्या उत्सवा निमतान) | कला अकादमी पणजी-गोंय |
| 19 | 2001 | 15 व्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलना निमतान | अखिल भारतीय कोंकणी परिशद |
| 20 | 2002 | पयल्या अखिल भारतीय कोंकणी संगीत संमेलना निमतान | कोंकणी भाशा मंडळ मडगांव-गोंय |
| 21 | 2003 | योगदाना खातीर | द बीग बॅण्ड कंट्री |
| 22 | 2003 | 6 व्या कोंकणी युवा साहित्य संमेलना निमतान | सेंट. झेवियर्स महाविद्यालय, म्हापशें-गोंय |
| 23 | 2003 | प्रज्वलीत ज्ञानमय प्रदीप | डी. एम्. सी. कॉलेज ऑफ आर्टस् एण्ड सायन्स, म्हापशें-गोंय |
| 24 | 2003 | 40 साव्या वर्सदीस निमतान | सेंट. झेवियर्स |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | | | महाविद्यालय, म्हापशें-गोंय |
| 25 | 2004 | अखिल भारतीय कोंकणी संगीत संमेलना निमतान | कोंकणी संगीत आनी नाटक अकादेमी |
| 26 | 2004 | कोंकणी गीत आनी संगीत परिसंवादा निमतान | गोवा कोंकणी अकादमी, पणजी-गोंय |
| 27 | 2004 | निधी निमतान | हॅल्पेज इंडिया |
| 28 | 2005 | गोमंत विश्व संमेलना निमतान | एन्. आर. आय्. फॅलिसिटेशन सॅण्टर पणजी-गोंय, (गोंय सरकार) |
| 29 | 2005 | योगदाना खातीर (मुख्याध्यापक) | सेंट जोझफ माध्यामीक विद्यालय, आरपोरा-गोंय |
| 30 | 2005 | शिक्षण क्षेत्राची सेवा केल्ल्यान | गोवा हेडमास्टर्स असोसिएशन, पणजी-गोंय |
| 31 | 2005 | शिक्षणीक क्षेत्रांत तांच्या प्रवासा खातीर | सेंट जोझफ माध्यामीक विद्यालय, आरपोरा-गोंय |
| 32 | 2005 | निधी निमतान | हॅल्पेज इंडिया |
| 33 | 2006 | 'गोंयचें दायज' विशयाचेर भासाभास करपी मंडळाचे वांगडी आशिल्ल्यान | आमचें दायज राशोल सेमिनारी, रायतूर-गोंय |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 34 | 2006 | | श्री शांता दुर्गा सोशल कल्चरल एण्ड एड्युकेशनल असोसियेशन कांदोळे -गोंय |
| 35 | 2007 | 15 व्या कोंकणी नाट्य महोत्सवा निमतान | गोवा कोंकणी अकादमी, पणजी-गोंय |
| 36 | 2007 | | फा. लायन्स असोसियेशन आरपोरा-गोंय |
| 37 | 2007 | 'जिवीत' म्हयन्याळ्या खातीर लिखाण केल्ल्यान | गिनी प्रॉडक्शन एण्ड पब्लिकेशन वेल्सांव-गोंय |
| | 2007 | पयलो कोंकणी तियात्र महोत्सव आयोजीत केल्ल्या कारणान | गोवा कोंकणी अकादमी, पणजी-गोंय |
| 38 | 2008 | कोंकणी साहित्य, संस्कृताय आनी समाजीक वावरा संबंदान | एम्. इ. एस्. कॉलेज ऑफ आर्टस्  एण्ड सायन्स |
| 39 | 2008 | संस्कृतीक मंडळाचे अध्यक्ष आशिल्ल्या कारणान (39 सावो अंतराष्ट्रीय चलचित्र उत्सव) | अँटरटेनमॅंट सोसायटी गोंय |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 40 | 2009 | सूर्य फुलांचा प्रदेश<br>माधवी देसाय | वसंतराव डेंपो<br>एड्युकेशन एण्ड रिसर्च<br>सॅण्टर, बांबोळी-गोंय |
| 41 | 2009 | नाट्य महोत्सवा निमतान | गोवा कोंकणी<br>अकादेमी, पणजी-गोंय |
| 42 | 2009 | | ग्लोबल गोवन<br>कनवॅनशन<br>पणजी-गोंय |
| 43 | 2010 | 2 –या कोंकणी रोमी लिपी साहित्य<br>आनी संस्कृती संमेलना निमतान | दाल्गाद कोंकणी<br>अकादेमी,<br>पणजी-गोंय |
| 44 | 2010 | योगदाना खतीर<br>(गोंयची संस्कृताय) | गोवा कल्चरल एण्ड<br>सोशल सॅण्टर पणजी-<br>गोंय |
| 45 | 2010 | परिक्षक मंडळाचे वांगडी<br>आशिल्ल्यान | पयली विश्व कोंकणी<br>संस्कृतीक सभा मांड<br>सबाण |
| 46 | 2011 | रोमी कोंकणींत दिल्ल्या योगदाना<br>खातीर (3 रे कोंकणी साहित्य आनी<br>संस्कृती संमेलन) | दाल्गाद कोंकणी<br>अकादेमी,<br>पणजी-गोंय |
| 47 | 2012 | तियात्र अकादमीचो संस्थापक<br>आशिल्ल्यान | तियात्र अकादमी,<br>पणजी-गोंय |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 48 | 2012 | गोंय मुक्ती उपरांतची कविता (21 व्या शेंकड्याच्या संदर्भान) | सेंट झेवियर्स महाविद्यालय, म्हापशें-गोंय आनी कला आनी संस्कृती खातें, पणजी-गोंय (जोडपालव) |
| 49 | 2012 | कविता आनी संगीत | दाल्गाद कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय |
| 50 | 2012 | कोंकणी संस्थेच्या संमेलना निमतान | दाल्गाद कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय |
| 51 | 2012 | पंचायती राज समितींच्या सुवर्णोत्सवा निमतान | डायरॅक्टरेट ऑफ पंचायती राज ऑफ गोवा |
| 52 | 2013 | ‘दी अडिकटिंग गोवा’ मोहिमे निमतान | जमात ए इजलामी हिंद गोवा |
| 53 | 30.01 .2013 | योगदाना खातीर | सॅंट्रो सोशल एण्ड कल्चरल सांव मिगेल दी तालिगांव-गोंय |
| 54 | 2013 | योगदाना खातीर (फुटबॉल) | कांदोळे  वटेरन्स, कांदोळे -गोंय |
| 55 | 2014 | आबे फारिया पुस्तक प्रकाशना निमतान | मडगांव गोंय |
| 56 | 2014 | बरोवप्याक भेट | दाल्गाद कोंकणी |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | | | अकादेमी |
| 57 | 2014 | शिक्षण क्षेत्रांत केल्ले सेवेची प्रसिद्दी करपा निमतान | पिंटोज विलेज लायब्ररी आनी कम्युनिटी वॅलफॅर सॅण्टर, कांदोळे -गोंय (जोडपालव) |
| 58 | 2014 | सभापतीच्या हुद्द्यार वावरून सेवा केल्ल्यान (सुवर्णोत्सव सत्कारा निमतान) | गोंय विधान सभा |
| 59 | 2016 | सायपें स्पोर्टस् क्लबाक दिल्ल्या योगदाना खातीर (सायपें स्पोर्टस् क्लबाची 50 वर्सां) | सायपें स्पोर्टस् क्लब, सायपें-गोंय |
| 60 | 2016 | 42 साव्या तियात्र उत्सवा निमतान | टायम्स् ऑफ इंडिया, नवी दिल्ली |
| 61 | 2016 | मंडळाचे वांगडी आशिल्ल्यान | 47 सावो भारतीय अंतराष्ट्रीय चलचित्र उत्सव |
| 62 | 2017 | रेजिनाल्ड फर्नांडीस हांका सन्मान दिल्ल्यान | रेजिनाल्ड फर्नांडीस हांच्या चल्या कडल्यान |
| 63 | 2017 | मीट द आर्टिस्ट | तियात्र अकादमी, पणजी-गोंय |
| 64 | 2017 | तियात्रांत दिल्ल्या योगदाना खातीर (तियात्राचो 125 सावो | |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | | वार्षिकोत्सव) | |
| 65 | 2018 | तियात्राच्या 125 साव्या वर्सदीस निमतान 'एकूच रस्तो' तियात्राचें दिग्दर्शन केल्ल्यान | तियात्र अकादमी, पणजी-गोंय |
| 66 | 2018 | योगदाना खातीर | कला अकादमी पणजी-गोंय |
| 67 | 2018 | जिवीत नेमाळाच्या दुस-या वर्सदीस निमतान | क्विनी प्रॉडक्शन |
| 68 | 2018 | सर्वसादारण मंडळाचे वांगडी आशिल्ल्यान | तियात्र अकादमी, पणजी-गोंय |
| 69 | | 18 व्या मांडो उत्सवा निमतान | गोवा कल्चरल एण्ड सोशल सॅण्टर पणजी-गोंय |
| 70 | | भोवमान भेटवण (सर्वसादारण मंडळाचे वांगडी आशिल्ल्यान) | गोवा कोंकणी अकादमी, पणजी-गोंय |
| 71 | | शिक्षण क्षेत्रांत श्रेश्ठताय जोडिल्ल्यान | गोवा हेडमास्टर्स असोसिएशन, पणजी-गोंय |
| 72 | | सभापती आशिल्ल्या कारणान | राजस्थान विधान सभा, जयपूर |
| 73 | | 20 वो मांडो उत्सव (कांदोलेचीं किरणां) | गोवा कल्चरल एण्ड सोशल सॅण्टर पणजी- |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | | | गोंय |
| 74 | | मांड्यान दिल्ल्या योगदाना खातीर | सोशल असोसियेशन सांताक्रूज, गोंय |
| 75 | | गोंय भक्तीच्या कवितांची सी.डी. | वैश्नवी क्रियेशन्स, मडगांव-गोंय |
| 76 | | भुरग्यांच्या भोव भाशीक रंगमाची उत्सवा निमतान | तरंग |
| 77 | | योगदाना खातीर | रोजरी कॉलेज ऑफ कॉमर्स एण्ड आर्टस्, नावेली-गोंय |
| 78 | | सेवा धर्मा परमो | राष्ट्रीय संरक्षण अकादमी, पुणे-मुंबय |

### 6. तियात्र विशयाचेर प्रकाशीत जाल्लीं पुस्तकां

| **क्र** | **पुस्तकाचें नांव** | **बरोवपी** | **वर्स** | **प्रकाशक** |
|---|---|---|---|---|
| 1 | **तियात्राचो इतिहास** | **प्रकाश थळी** | **1993** | **गोवा कोंकणी अकादेमी पणजी** |
| 2 | Tiatr Ani | Fausto.V.Da | 1994 | The Goan |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | Tiatrist | Costa | | Review Publications, Mumbai |
| 3 | 100 Years of Konkani Tiatro | Compiled by Wilmix Wilson Mazarello | 2000 | Directorate of Art and Culture, Panaji |
| 4 | Konknni Palkacho Kunvor | Ives Tavares | 2004 | Ives Tavares, Ilha De Rachol |
| 5 | Tiatristes(Portraits) | Alex Fernandes | 2007 | Alex Fernandes Caranzalem, Panaji |
| 6 | Directory of Tiatr Artistes | TAG Panaji | 2010 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 7 | Pai Tiatrist Joao Agostinho | John Gomes | 2010 | Goa Konkani Academy, |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | Fernandes | | | Panaji |
| 8 | Tiatr Palkhache Khambe | John Gomes | 2010 | Queeny Productions and Publicatios, Velsao |
| 9 | When the Curtains Rise… | Andre Rafael Fernandes | 2010 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 10 | Citizen's Charter | TAG Panaji | 2011 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 11 | Konkani Gramaphone Records | Compiled by Felix Correia/Franklin De Souza | 2011 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 12 | A Report | TAG Panaji | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 13 | Directory of Tiatr Artistes | TAG Panaji | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 14 | Oxem Ghoddlem | Daniel.F.De Souza | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 15 | खेळ राजांव | पावलू मोरास | 2013 | Padvol Prakashan, Mangalore |
| 16 | A Report | TAG Panaji | 2018 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 17 | Konkani Khell Tiatr | Wilson Mazarello | 2018 | Dalgado konknni Akademi, Panaji |
| 18 | The Land of Sunflowers | Madhavi Desai ( Tran. By Prakash | 2009 | Shri Shivsail Prakashan |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | Thali) | | |
| 19 | Tiatr Machi Part 1 | Comp. Carlos Fernandes | 2017 | Central Library In-house Publication |
| 20 | Tiatr Machi Part 2 | Comp. Carlos Fernandes | 2018 | Central Library In-house Publication |
| 21 | Tiatr 125th Anniversary | Ed. Tomazinho Cardozo | 2019 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 22 | Silver Jubilee of Tiart | Ed. Tomazinho Cardozo | 2000 | Kala Academy Goa |
| 22 | Stalwarts Of The Tiatr Stage | John Claro Fernandes | 2020 | Omor Prokaxon, Candolim |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 23 | Essentialist and Epocalist elements in Goan Popular Culture | Pramod Kale | 1986 | Poona |

**7. तियात्रांचीं पुस्तकां**

| क्र | पुस्तकाचें नांव | बरोवपी | वर्स | प्रकाशक |
|---|---|---|---|---|
| 1 | Amche Bomboikar Ani Tancho Sonvsar | B.F. Cabral | 1912 | B.F Cabral, Karachi |
| 2 | Guneaum Chukicho Vo Gondoll Zounlleam Bhavancho | A.V. D'Cruz | 1923 | A.V. D'Cruz Publication, Siolim |
| 3 | Gabruchi Sasumaim | B.F Cabral | 1923 | B.F Cabral, Karachi |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 4 | Battkara ( 3 Tiatr) | Joao Agostinho Fernandes | 1936 | |
| 5 | Mog UL-U-Lo | Martinho Vaz | 1941 | Martinho Vaz, Curtorim |
| 6 | Dadlo | Tamaturgo De Souza | 1948 | Tamaturgo De Souza, Siolim |
| 7 | Venus Noketr Sioliechem | Antoninho F.de Souza de Siolim | 1949 | Antoninho F.de Souza de Siolim |
| 8 | Kitem Anvem Kelem ? | Antoninho F.de Souza de Siolim | 1949 | Antoninho F.de Souza de Siolim |
| 9 | Nazuk Tiatr ( 5 Teatr) | Pri. Alvaro Renato Mendes | 1955 | Konknni bhaxent Katolk Boroinnarancho Ekvott,Pilar |
| 10 | Ghrestkai | A.L. | 1958 | Johnson & |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | Rodrigues | | Company Margao |
| 11 | Tin Tiatr | Prabhakar .N. Tendulkar | 1964 | Lourenco Sequeira, Panaji |
| 12 | Bhavarteanchem Tivim | Ramacanta Poulencar | 1964 | Lourenco Sequeira, Panaji |
| 13 | Tujem Tuka | Dionisio D'Sousa | 1967 | Dionisio D'Sousa, Merxe |
| 14 | Mogacho Xevott Ximiterint | Brazinho Soares | 1970 | Brazinho Soares Prokaxon, Santa Cruz |
| 15 | Murt Tuvench Ghoddoili (2 Tiatr) | Ramakant Poulenkar | 1971 | Dinanath Prakashan, Mapusa |
| 16 | Onit | Pri. Freddy J Da Costa | 1978 | Jeco Prakaxann, Varca |
| 17 | Subedi Sun | Rico Rod | 1979 | Rico Rod |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | | | Publication, Sirlim ? |
| 18 | Utram Ani Kornneo | Tomazinho Cardozo | 1981 | Omor Prakashan, Candolim |
| 19 | Tiatr Machier (2Tiatr)Ixtt /Hanvuch To ! | Tomazinho Cardozo | 1982 | Omor Prakashan, Candolim |
| 20 | Aicho Somaz | Tomazinho Cardozo | 1987 | Omor Prakashan, Candolim |
| 21 | Bhurgim Amchi Girestkai | Tomazinho Cardozo | 1987 | Omor Prakashan, Candolim |
| 22 | Inspector | Tomazinho Cardozo | 1987 | Omor Prakashan, Candolim |
| 23 | Kallokh ani Uzvadd | Tomazinho Cardozo | 1987 | Omor Prakashan, Candolim |
| 24 | Ontoskorn ani Kaido | Tomazinho Cardozo | 1987 | Omor Prakashan, |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | | | Candolim |
| 25 | Zogzogta Titleim Bhangar Nhoi | Tomazinho Cardozo | 1988 | Omor Prakashan, Candolim |
| 26 | Kanttech Kantte | Tomazinho Cardozo | 1988 | Omor Prakashan, Candolim |
| 27 | Kal Ani Aiz | Cezar D'Mello | 1990 | Cezar Dramatic Troupe, Panaji |
| 28 | Amcheamni Monis Zaum Ietat | Felicio Cardoso | 1992 | Sot Prokaxon, Suravli |
| 29 | तियात्र- म्होंवाळ विख/ समाज सेवा | तोमाझीन कार्दोज | 1992 | अमर प्रकाशन, कांदोळी |
| 30 | सुकती भरती | विल्मिक्स विल्सन माझारेलो | 1993 | अपुरबाय प्रकाशन, फोंडें |
| 31 | Reginald Fernandes (Prizavantlo | Editor- Joel D'souza | 1995 | |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | Ghutt) | | | |
| 32 | Niz Mog | Pri. Freddy J. Da Costa | 1996 | Gulab Prokaxon, Panaji |
| 33 | Tiatrancho Jhelo-1 (5 Tiatr) | Editor- Felicio Cardoso | 1996 | Goa Konkani Akademi, Panaji |
| 34 | Tiatrancho Jhelo-2 (5 Tiatr) | Editor- Felicio Cardoso | 1998 | Goa Konkani Akademi, Panaji |
| 35 | दुरीग | विल्मिक्स विल्सन माझारेलो | 2000 | श्री. हरि प्रकाशन, नावेली |
| 36 | Kolakar | Cezar D'Mello | 2003 | Cezar Dramatic Troupe, Panaji |
| 37 | Pavl Mhojem Chuklem | Mike Mehta | 2003 | Om Connie Films & Publications |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | | | , Margao |
| 38 | अशें एक ल्हार | आग्नेलो (बोरीं) | 2003 | ऊ श्री. दत्त पद्मजा प्रकाशन, काणकोण |
| 39 | कायदो( लिप्यंतर) | आर्.बी.एस्. कोमरपंत/ कमलाकर दत्ताराम म्हाळशी | 2003 | ऊ श्री. दत्त पद्मजा प्रकाशन, काणकोण |
| 40 | Futt | Fausto.V. DaCosta | 2004 | The Goan Review Prokaxon, Mumbai |
| 41 | भूंय-कांप | मार्क द आरावजो | 2005 | गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी |
| 42 | Ami Soglle Ek | Tomazinho Cardozo | 2006 | Goa Konkani Academy, Panaji |
| 43 | Ghorachem | Remmie | 2006 | Goa |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | Sukh | Colaco | | Konkani Academy, Panaji |
| 44 | Torsad | Menino M. Araujo | 2006 | Machi Mogi, Santa Cruz |
| 45 | Goemkaramchem Rogot | Mike Mehta | 2006 | Om Connie Films & Publications, Margao |
| 46 | Purtugez Kolvont | John Claro Fernandes | 2006 | Goa Konkani Akademi, Panaji |
| 47 | फूट | फावुश्त वि.द.कॉश्त | 2006 | गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी |
| 48 | उपरांत रोडोन कित्याक उपकारता ? | मारियो मिनेझिस | 2006 | मारियो मिनेझिस, चिंचोणें |
| 49 | Mhaka Jiyeunk Zai | Caetano Pereira | 2007 | Pereira Prokaxon, |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | | | Merxe |
| 50 | Odruxtti Jivit | Joao Cardozo | 2007 | Omor Prokaxon, Candolim |
| 51 | Ugddas | Caetano Pereira | 2007 | Pereira Prokaxon, Merxe |
| 52 | Mhaka Nokri Mel'li | Menino M. Araujo | 2007 | Machi Mogi, Santa Cruz |
| 53 | Ek Sonvsar Konvchecho | Rodney Severes | 2008 | Rodcans Prokaxon, Majorda |
| 54 | Fottkiro | Filipe Pereira | 2008 | Elvina Prokaxon |
| 55 | Kalliz Ostorechem | Cezar D'Mello | 2008 | Cezar Dramatic Troupe, Panaji |
| 56 | Konn To Khuni | Brazinho Soares | 2008 | Tadeu Soares Prokaxon, |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | | | Santa Cruz |
| 57 | Lok Nit | Menino M. Araujo | 2008 | Machi Mogi, Santa Cruz |
| 58 | Roddo Naka | Prince Jacob | 2008 | Cynthia Fernandes, Fatorda |
| 59 | भाड्याचो कुसवो | मिनीन मारियो आरावजो | 2008 | गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी |
| 60 | Bhaddeacho Kusvo | Menino M. Araujo | 2009 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |
| 61 | Fulam ani Kantte/ Jovan | Prem Kumar | 2009 | Goa Konkani Academy, Panaji |
| 62 | Chondrim | Ben Evangelist o | 2009 | Sibila Fernandes, Benaulim |
| 63 | Soimbacho | Menino M. | 2009 | Machi |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | Khell | Araujo | | Mogi, Santa Cruz |
| 64 | Padri | Prince Jacob | 2009 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |
| 65 | Zobordosti | Menino.M. Araujo | 2009 | Machi Mogi, Santa Cruz |
| 66 | Mogiancho Dongor | Menino M. Araujo | 2010 | Machi Mogi, Santa Cruz |
| 67 | Teag | R.B.S. Komarpant | 2010 | Om Shri Datt Padmaja Prakashan, Canacona |
| 68 | Thapott | Roseferns | 2010 | Roseferns, Benualim |
| 69 | Jivit Samballum-ia | Soccoro Rebello | 2010 | Shineon Rebello, Chinchinim |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 70 | आशिर्वाद | बेनिसियो वितोरीन पेरैरा | 2010 | गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी |
| 71 | Bhurgem Jivit | Tomazinho Cardozo | 2011 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 72 | Dixa Konn Dakhoytolo | Carmin S. Joseph Vas | 2011 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 73 | दुडवांचो मोग | वितोरीन पेरैरा | 2011 | गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी |
| 74 | Hem Oxench Choltolem ! | R.B.S Komarpant | 2011 | Rukbai Prakashan, Canacona |
| 75 | Kallo Fator | Cezar D'Mello | 2011 | Cezar Dramatic Troupe, Panaji |
| 76 | Jivit Ek Sopon/Abdul Narayan | Prem Kumar | 2011 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | D'Souza/Mortikar (3Tiatr) | | | |
| 77 | Teacher Mhaka Palov Di | Mangal Nadkarni | 2011 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 78 | Uzvaddant Kallokh | Domnic Coelho | 2011 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 79 | Tiatr Goychea Somazacho Arso-1 (4Tiatr) | Tomazinho Cardozo | 2011 | Omor Prokaxon, Candolim |
| 80 | Tiatr Goychea Somazacho Arso-2 (4Tiatr) | Tomazinho Cardozo | 2011 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 81 | Tiatr Goychea Somazacho Arso-3(4Tiatr) | Tomazinho Cardozo | 2011 | Omor Prokaxon, Candolim |
| 82 | Avoyn Kelem Pap, Putan Dili Zap | William De Curtorim | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 83 | Dennem Avoichem | Fatima D'souza | 2012 | Fatima D'souza, |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | | | Fatorda |
| 84 | Dev Podvedar/ Divea Pondak | Anil Kumar | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 85 | Jezuchea Pavlamni (3 Tiatr) | Pri. Nevel.L.S Gracias | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 86 | Puro, Ami Tras Kaddleat Te | Alfredo Fernandes | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 87 | Mummy Mhaka Tuje Vengent Dhor | Albert Leo DeSouza | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 88 | Ti Axea | Pedro Caetano D'Silva | 2012 | Pedro Caetano D'Silva, Seraulim |
| 89 | Visvasgath | Soccoro Rebello | 2012 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 90 | Bhirant | Anil Kumar | 2012 | Anifa Productions, |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | | | Fatorda |
| 91 | Beiman Kir | Mario Menezes | 2013 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 92 | Fuddar | Justiniano Fernandes | 2013 | F.Charlie Prokaxon, Sanguem |
| 93 | Dhongi | Anthony Miranda | 2013 | Ameer Prokaxon, Cortalim |
| 94 | Tiatr Goychea Somazacho Arso-4 (4Tiatr) | Tomazinho Cardozo | 2014 | Omor Prokaxon, Candolim |
| 95 | Tiatr Goychea Somazacho Arso-5 (4Tiatr) | Tomazinho Cardozo | 2014 | Omor Prokaxon, Candolim |
| 96 | Kaide Konnank? ( 2 Tiatr) | Cezar D'Mello | 2014 | Cezar Dramatic Troupe, Panaji |
| 97 | Ragan Kazar Mogan Divors/ | Jack De Vasco | 2014 | Dalgado Konknni |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | Eksuro | | | Akademi, Panaji |
| 98 | Oxir Rosteachi Runday | Fr. Lucas Rodrigues S.F.X | 2015 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |
| 99 | Venchik 5 Tiatr | Agnelo (Borim) | 2015 | Vandana Productions Borim |
| 100 | Air Hostess | Menino M. Araujo | 2015 | Menino M. Araujo, Santa Cruz |
| 101 | Kirmidoracho Rosto | Cezar D'Mello | 2016 | Cezar Dramatic Troupe, Panaji |
| 102 | Uzo Uloinam/ Chintunk Naslem (2Tiatr) | Natty Fernandes | 2016 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |
| 103 | Nissor Ghant | Menino M.Araujo | 2017 | Menino M. Araujo, |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | | | Santa Cruz |
| 104 | Ghorabo | Nelson Afonso | 2018 | Jivit Publications , Majorda |
| 105 | Nirmonn | Albert Leo.DeSouza | 2018 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 106 | Xirlo | Mario Menezes | 2018 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 107 | Zoi Priti Mog Vosta/ Mog Mogan Jiye (2Tiatr) | Domnic Coelho | 2018 | Tiatr Academy of Goa, Panaji |
| 108 | On-Ollkhi | Menino M. Araujo | 2018 | Menino M. Araujo, Santa Cruz |
| 109 | Kallo Dhondo/Kazar Nhoi Bavleachem Logn (2 Tiatr) | Cezar D'Mello | 2019 | Cezar Dramatic Troupe, Panaji |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 110 | Mollbavelm Suknnim | Menino M. Araujo | 2019 | Menino M. Araujo, Santa Cruz |
| 111 | Oinni Mitth | Menino M. Araujo | 2019 | Menino M. Araujo, Santa Cruz |
| 112 | Ek Aslo Surya | Marcos Gonsalves | 2021 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |
| 113 | Devachea Molleant | Menino M. Araujo | 2021 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |
| 114 | Zayat Zage | Prince Jacob | 2021 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |
| 115 | Eke Fottik Xembor Fotti | Mario Menezes | 2021 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 116 | Kirnnam | William Fernandes | 2021 | Dalgado Konknni Akademi, Panaji |